# कथाकार चंद्रकांत केणीः एक मुल्यांकन

कोंकणी विभाग
गोंय विद्यापीठ


डॉक्टरेट इन फिलोसोफी
हे पदवे खातीर हो प्रबंद कोंकणींत भेटयतां

सोदवावर करपी
**प्रकाश नारायण नायक**

मार्गदर्शक
डॉ. (श्रीमती) चंद्रलेखा डि सौझा
प्रपाठक आनी मुखेली
कोंकणी विभाग
गोंय विद्यापीठ

गोंय विद्यापीठ, ताळगांव - गोंय- 403 206
(भारत)

**2010.**



श्री चंद्रकांत शांताराम केणी (१९३४ – २००९)

# DECLARATION.

As required under the Goa University ordinance OB9.9 (ii), I Naik Prakash Narayan, here by declared that the thesis titled "*kathakar Chandrakant keni :Ek Mullyankan*" is the outcome of my own research undertaken under the guidance of Dr.(Mrs) Chandralekha A. D'Souza (research guide) reader and Head of Department of Konkani, Goa university in an attempt to find new insight into the chosen area of study. This research work has not previously formed the basis of any award of any Degree, Diploma, Associate ship, fellowship or other similar titles to me.

Place : Goa University.

Date:

Naik Prakash Naryan

Research Student.

# ***जाहिरनामो.***

*हांव प्रकाश नारायण नायक जाहीर करतां की गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागांतल्यान डॉक्टर ऑफ फिलोसफी हे पदवे खातीर सादर केल्लो* ***"कथाकार चंद्रकांत केणी: एक मुल्यांकन"*** *हो सोदप्रबंध म्हज्या स्वताच्या अभ्यासाचें आनी वावराचें फळ जावन आसा. तशेंच गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाच्यो मुखेली आनी प्रपाठक डॉ. (श्रीमती) चंद्रलेखा डि सौझा हांच्या भोव मोलादीक मार्गदर्शना खाला हो सोदवावर पुराय केला. हो सोदप्रबंध हे आदीं हांवें ह्या वा दुसऱ्या खंयच्याय विद्यापिठाची पदवी, पदविका वा दाखल्या परिक्षे खातीर सादर करूंक ना, म्हणपाचें हांव हांगा जाहीर करतां.*

**स्थळः गोंय विद्यापीठ** **प्रकाश नारायण नायक**

**तारीखः** **विद्यार्थी**

# ***दाखलो.***

*गोंय विद्यापिठाच्या, कोंकणी विभागांतल्यान श्री प्रकाश नारायण नायक हाणें डॉक्टर ऑफ फिलोसफी हे पदवे खातीर सादर केल्लो* ***"कथाकार चंद्रकांत केणी: एक मुल्यांकन"*** *हो सोदप्रबंध म्हज्या मार्गदर्शना खाला पुराय केला म्हणपाचें हांव प्रमाणीत करतां. हो सोदवावर हे आदीं ताणें ह्या वा दुसऱ्या खंयच्याय विद्यापिठाची पदवी, पदविका वा दाखल्या परिक्षे खातीर सादर करूंक ना, म्हणपाचें हांव हांगा प्रमाणीत करतां.*

**स्थळः गोंय विद्यापीठ**

**तारीखः**

**डॉ. चंद्रलेखा डि सौझा.**
**प्रपाठक आनी मुखेली.**
**कोंकणी विभाग.**
**गोंय विद्यापीठ.**

# उपकाराचें पान......

'कथाकार चंद्रकांत केणीः एक मुल्यांकन' हो सोदप्रबंध तुमचे मुखार सादर करतना म्हाका काळजा सावन खोस भोगता. हे खोसयेच्या प्रसंगाक हांव सगल्यांत आदीं काळजा सावन उपकार मानतां ते म्हज्यो मार्गदर्शक डॉ. (श्रीमती) चंद्रलेखा डि सौझा हांचे. तांचें भोव मोलादीक मार्गदर्शन म्हाका लाबलें. केन्ना केन्ना आपलीं म्हत्वाचीं कामां पेल्यान दवरून तिणें म्हाका गरज लागता तेन्ना वेळ दिलो आनी अभ्यासा संदर्भांत म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो दिल्यो. तिच्या उत्तेजनाक लागून हो सोदवावर हांव पुराय करूंक पावलों. देखून हांव तिचे उपकार मानतां.

तशेंच हो सोदप्रबंद पुराय करपाक गोंय विद्यापाठाच्या उपकुलगुरूंचे प्रतिनिधी म्हूण डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार हांणी वेळा काळार म्हाका वेवस्थीत मार्गदर्शन आनी कांय म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो केल्यो देखून हांव तांचे उपकार मानतां.

ह्या सोदवावरा खातीर संदर्भ पुस्तकां आनी साहित्य सोदपा खातीर हांवें 'गोंय विद्यापीठ', 'सॅण्ट्रल लायब्ररी', 'गोवा कोंकणी अकादेमी', 'थॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र' ह्या संस्थांच्या वाचपघरांचो आदार घेतलो तांच्याय जाळवणदारांचे हांव मना पसून उपकार आठयतां.

तशेंच हो सोदवावर करता आसतना ज्ञानपीठ पुरस्कृत भौ. रवीद्र केळेकार हांणी आपल्या खाजगी वाचनालयाचो वापर करूंक दिलो म्हूण तांचे हांव उपकार मानतां. तशेंच कुळागराच्या खाजगी वाचनालयांतल्या पुस्तकांचो वापर करूंक दिल्ले खातीर हांव श्री चंद्रकांत केणीं हांचे काळजा सावन उपकार मानतां. तशेंच नागेश करमलींच्या खाजगी वाचनालयाचो वापर करूंक दिल्ल्या कारणान हांव तांचेय उपकार मानतां.

गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाच्यो प्रपाठक डॉ. माधवी सरदेसाय हांच्यांनी सोदवावराचे बाबतींतल्यो अडी अडचणी पयस करपाचे नदरेन केल्ल्या आदाराक लागून हांव तांचेय काळजांतल्यान उपकार मानतां.

भास विभागाचे डीन डॉ. के. एस. भट्ट हांच्यांनी दिल्लो आदार भोव मोलाचो आसलो देखून तांचेय उपकार मानतां.

तशेंच म्हजे वांगडा कोंकणी विभागांत सोदवावर करपी प्रा. प्रकाश पर्येकार, प्रा. राजय पवार, ज्योती देसाय आनी राखी आमोणकार हांच्यानी वेळा वेळार केल्ल्यो सुचोवण्यो, भासाभास आनी विचारांचें आदान प्रदान हांकां लागून हांव तांचे सगल्यांचे काळजा सावन उपकार मनतां.

हो सोदवावर करता आसतना गोवा कोंकणी आकादेमी, पणजी हांणी दिल्ले शिक्षणवृत्तीक लागून म्हजो सोदवावर करता आसतना कांय प्रमाणांत अर्थीक पालोव मेळ्ळो म्हूण तिचे उपकार मानतां.

खरेपणान उपकार मानूंक जाय अशें काळजा सावन दिसता ते म्हळयार म्हाका वेळचे वेळार उमेद दिवपी म्हजे इश्ट सुजाता चोडणकार, रसल फर्नांडीस आनी म्हजीं घरचीं.

तशेंच ह्या सोदवावराक ज्या लोकांचो म्हाका प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रुपान आदार घेवंचो पडलो त्या सगल्यांचे हांव मना सावन उपकार मानतां.

**देव बरें करूं**

स्थळः सिरसय

**प्रकाश नारायण नायक**

**विद्यार्थी**

# भुमिका

कथाकार चंद्रकांत केणी ही कोंकणींतली एक प्रतिश्ठीत व्यक्तीमत्व आशिल्ली व्यक्ती. ते कोंकणीच्या विंगड विंगड मळांचेर वावूरल्यात. कथा साहित्याक तांणी दिल्लें योगदान मोलादीक आनी व्हड आसा. चंद्रकांत केणी साहित्यीक म्हूण कोंकणी साहित्याच्या मळार जितले वावूरल्यात तितलेच ते गोंय प्रदेशा खातीर आनी कोंकणी भाशे खातीर पोटतिडकीन वावूरल्यात, देखून हेंय कार्य तितलेंच मोलादीक थारता. ह्या मळाचेर वावूरता आसतना चंद्रकांत केणींनी आपले साहित्य साधनेक केन्नाच खंड पडपाक दिलोना. गोंय मुक्तीच्या आदीं सावन सुरवात जाल्ली तांची साहित्यीक साधना मर मेरेन तशीच उरली. ह्या लांब काळांत एक कविता सोडली जाल्यार चंद्रकांत केणींनी विंगड विंगड साहित्य प्रकार हाताळ्ळ्यात. ह्या सगळ्यां मदीं ते कथाकार म्हूण उरले.

कोंकणी कथा हेर भासांचे तुळेन फाटीं उरची न्हय म्हूण ते वावूरल्यात. कोंकणी कथेंत 'कथिका' हो कथा साहित्य प्रकार तांणी हाडलो. कोंकणींत तांचे आठ कथासंग्रह मेळटात. ते म्हणल्यार, 'धर्तरी अजून जियेताली', 'अळमी', 'आशाढ पांवळी', 'व्हंकल पावणी', 'जंय वतां थंय', 'बहुरत्ना वसुंधरा', आनी दोन कथिका संग्रह 'कथिका' आनी 'मेघ-मल्हार' प्रकाशीत जाल्ले. 'रुपां आनी रुपडीं' हो कथा संग्रह आनी 'दवा थेंब' हो संपादीत कथिका संग्रह उपरांत उजवाडाक आयले.

चंद्रकांत केणींनी कोंकणीक सुमार दोन हजार कथिका दिल्यात. ह्या सोदप्रबंधांत विस्तारीत अभ्यासा खातीर तांचे तीन कथासंग्रह घेतल्यात, ते म्हणल्यार, 'धर्तरी अजून जियेताली', 'अळमी' आनी 'व्हंकल पावणी'. हे तीन कथासंग्रह घेवपा फाटलो मुखेल उद्देश म्हणल्यार, तांच्यो सगळ्यो कथा घेतिल्ल्यो जाल्यार अभ्यास करता आसतना फकत नियाळ जातलो आसलो आनी कथांचो बरो अभ्यास जावचो नासलो अशें म्हाका दिसलें. अभ्यासाक खोलाय मेळची म्हूण चंद्रकांत केणींचे कथेची विसकटावणी ह्या तीन कथासंग्रहांतल्या कथांच्या आदाराचेर केल्या. कोंकणी भाशे खातीर आनी गोंयां खातीर केलो चंद्रकांत केणींचो वावर म्हत्वाचो आसा, तोय बी ह्या सोदप्रबंधांत अभ्यासूंक घेतला.

'कथाकार चंद्रकांत केणीः एक मुल्यांकन' ह्या सोदप्रबंधांत सात प्रकरणां केल्यांत, पयलें प्रकरण म्हणल्यार 'चंद्रकांत केणींचें व्यक्तित्व'. हाचेय परते तीन विभाग केल्यात. पयल्या विभागांत 'चंद्रकांत केणीः व्यक्तित्व' हातूंत चंद्रकांत केणी – जल्म आनी भुरगेपण, आवय बापूय आनी घराणें, शिक्षण, वैवाहीक जीण आनी उपरांत, चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तिमत्वाचीं भायलीं आंगां. हातूंत वेशभुशा, छंद, वक्तो आनी भोंवडेकार अशे तरेन विभाग केल्यात. पयल्या प्रकरणाचो दुसरो भाग चंद्रकांत केणींचे पत्रकारितेचेर आदारीत आसा. तांणी कोंकणी, हिंदी, मराठी, इंग्लेज भासांतल्यान केल्ले पत्रकारितेच्या वावराचो अभ्यास हातूंत आसपावता. चंद्रकांत केणींनी कोंकणी साहित्यांत आपली अशी वेगळी सुवात जोडल्या. तांणी कोंकणी साहित्य निर्मिती वांगडाच हेर भासांतल्यान लेगीत साहित्य निर्माण केलां. ते वांगडा कथा साहित्यच न्हय तर हेर साहित्य प्रकार तांणी हाताळ्ळ्यात. हो तांचे साहित्य निर्मितीचेर आदारून आसा तो प्रबंधांतल्या पयल्या प्रकरणाचो तिसरो वांटो म्हणल्यार 'साहित्य निर्मिती'.

मांडावळींतलें दुसरें प्रकरण म्हणल्यार 'चंद्रकांत केणी – युगीन परिवेश'. हें तीन वांट्यांनी विभाजीत जालां. पयल्या विभागांत त्या काळाचे सामाजीक, राजकी आनी अर्थीक परिस्थितीचेर भर दितात. हातूंत त्या काळांतली सामाजीक, राजकी आनी अर्थीक परास्थिती कशी आसली आनी ते परिस्थितीचो चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तित्वाचेर कसो प्रभाव पडलो हाचो अभ्यास केला.

मांडावळींतल्या दुसऱ्या प्रकरणांतलो दुसरो वांटो म्हणल्यार, 'युगीन परिवेश'. हातूंत भोंवतण, वातावरण, परिस्थिती हांच्या प्रभावाचो अभ्यास आसपावला. हातूंत चंद्रकांत केणींचेर जाल्ले संस्कार, तांकां जाल्लो कोंकणीचो पयलो दिश्टावो, मुंबयचो परिवेश, उपरांत कोंकणी युगीन परिवेश हातूंत गोंय, कोंकणी भास, प्रदेश आनी चंद्रकांत केणींनी केल्लो संघटनात्मक वावर, कोंकणी भाशा मंडळाक ठांयबसणेक लावपा खातीर केल्लो - चंद्रकांत केणींचो वावर, चंद्रकांत केणी आनी कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय जोडपाची चळवळ आनी उपरांत राष्ट्रभाशे विशीं चंद्रकांत केणींचें कार्य असो अभ्यास हांगा केला. ह्या प्रकरणांतल्या तिसऱ्या वांट्यांत 'चंद्रकांत केणींचे कथेंत पडबिंबीत जावपी गोंय'

हाचो अभ्यास आसपावला. चंद्रकांत केणींच्या कथांचो हांगा प्रादेशीक तरेन अभ्यास जावंक ना पूण तांच्या कथांनी मर्यादीत प्रमाणांत गोंय कशें येता तें सोदपाचो यत्न हांगा जाला.

मांडावळींतलें तिसरें प्रकरण म्हणल्यार कोंकणी 'कथाविश्वांत चंद्रकांत केणींची सुवात'. हातूंतलो पयलो वांटो कोंकणी कथेच्या इतिहासाचेर आदारीत आसा. तर दुसरो, चंद्रकांत केणी आनी वेगवेगळे समकालीन कोंकणी कथाकार हांचेर आसा. हातूंत तांच्या समकालीन चार कथाकार म्हणल्यार, अ. ना. म्हांबरो, दामोदर मावजो, शीला कोळंबकार आनी मीना काकोडकार हांच्या कथा साहित्याचो अभ्यास आयला. पूण हांगा तांच्या कथांचो तुलनात्मक अभ्यास करूंक ना. ह्या विभाजनांतल्या तिसऱ्या विभागांत चंद्रकांत केणींच्या कथा लेखनाच्या खाशेलपणांचो अभ्यास केला. हो परत तीन वांट्यांनी विभाजीत जाल्लो आसा. पयल्या वांट्यांत कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंतली संवसारीकताय, दुसऱ्या वांट्यांत कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंत आयिल्ली अस्तुरी आनी तिसरो वांटो म्हणल्यार कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंतली प्रयोगशील कथा रचना.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी साहित्याक 'कथिका' हो कथासाहित्य प्रकार दिला. हाचेर आदारीत मांडावळींतलें चवथें प्रकरण आसा. हातूंत भारतीय साहित्यांत 'कथिका' हो साहित्य प्रकार आनी कोंकणी कथिकेंत चंद्रकांत केणींचें योगदान हाचेर अभ्यास केल्लो आसा.

उपरांत पांचवें प्रकरण चंद्रकांत केणींचे भाशेचेर आनी शैलेचेर आदारीत आसा. भाशे अंतर्गत चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्याचो भाशेचे नदरेन अभ्यास केला. ह्या अभ्यासांत चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्यांत वापरिल्ली भास, वाक्य रचना, पात्रभाशा - पात्रानुकूल भाशेच्यो देखी, भाशेचें स्वरूप हातूंत शब्दगत प्रयोग - तत्सम उतरां, तद्भव उतरां आनी थळावीं उतरां हातूंत परत कोंकणी उतरां, अरबी फारसी उतरां, इंग्लेज उतरां, हिंदी उतरां, मराठी उतरां हांचो विस्तारान अभ्यास हांगा केला. तशेंच तांच्या कथा साहित्यांत मेळपी संकर उतरां आनी तांचे कथेंत दिसपी विभिन्न खाशेली उतरावळ हांचो अभ्यास केला. कथाकार चंद्रकांत केणींनी भोवभाशीक म्हणींचो वापर केला तांचो अभ्यास केला

आनी वांगडाच तांणी वापरिल्ले वाक्प्रचार हांचोय अभ्यास केला. हाचो दुसरो विभाग शैलेचेर आदारून आसा. हातूंत कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथाशैलेचो अभ्यास केला.

मांडावळींत निमाणे कडेन येवपी निश्कर्शांत दर एका अध्याया उपरांत आयिल्ल्या निश्कर्शांचेर भासाभास सादर केल्या. उपरांत ह्या सोदप्रबंधाक वापरिल्ली आदारावळ दिल्या. परिशिश्टांत चंद्रकांत केणीं वांगडा केल्ली भासाभास येता.

***

# मांडावळ.


भुमिका. vi

1. चंद्रकांत केणींचें व्यक्तितत्व. 4-65

1.1. चंद्रकांत केणीः व्यक्तितत्व. 4

1.2. कोंकणी, हिंदी, मराठी आनी इंग्लेज भासांनी पत्रकार. 20

1.3. साहित्य निर्मिती. 44

2. चंद्रकांत केणी - युगीन परिवेश. 67-165

2.1. त्या काळाची सामाजीक, राजकी आनी आर्थिक परिस्थिती. 67

2.2. युगीन परिवेशा अंतर्गत भोंवतण, वातावरण, परिस्थिती हांचो प्रभाव. 96

2.3. चंद्रकांत केणींचे कथेंत पडबिंबीत जावपी गोंय. 150

3. कोंकणी कथाविश्वांत चंद्रकांत केणी. 167-239

3.1 कोंकणी कथेचो इतिहास. 167

3.2. चंद्रकांत केणी आनी वेगवेगळे समकालीन कोंकणी कथाकार. 190

3.3. चंद्रकांत केणींचीं खाशेलपणां. 205

4. कथिका आनी चंद्रकांत केणी. 241-251

4.1. भारतीय साहित्यांत कथिका हो सहित्य प्रकार आनी कोंकणी कथिकेंत चंद्रकांत केणींचें योगदान. 241

5. भास आनी शैली. 253-305

5.1. भास. 253

5.2. शैली. 287

6. निश्कर्श : 307-314

6.1. दर एका अध्याय उपरांत आयिल्ल्या निश्कर्शांचेर भासाभास. 307

7. परिशिश्ट आनी सुची. 316-334

7.1. परिशिश्टः चंद्रकांत केणी वांगडा केल्ली भासाभास. 316

7.2. आदारावळ. 325

## 1. चंद्रकांत केणींचें व्यक्तित्व.

### 1.1 चंद्रकांत केणीः व्यक्तित्व.

### 1.2 कोंकणी, हिंदी, मराठी आनी इंग्लेज भासांनी पत्रकार.

### 1.3 साहित्य निर्मिती.

## 1.1 चंद्रकांत केणीः व्यक्तित्व.

चंद्रकांत केणी हांकां कोंकणी साहित्यांत मुखेलपणान कथाकार म्हूण वळखतात. तांच्या कथा साहित्याचो अभ्यास करचे पयलीं तांचें व्यक्तितत्व जाणून घेवप गरजेचें थारता. कारण दर एका साहित्यकाराच्या साहित्याचेर ताची स्वताची जीण, परिवेश आनी हेर गजालींचो प्रभाव आसता. खंयच्याय संवेदनशील साहित्यकाराक ह्या गजालीं पसून पयसावंक जावचो ना. बरोवप्याच्या खाशेल्या अभ्यासाची सुरवात सामान्यपणान ताच्या चरित्रा पासून जाता, बरोवप्याच्या वाङ्मयाचो विचार करतना अपरिहार्यपणान ताच्या चरित्रा कडेन वळप गरजेचें थारता.

हे विशीं डॉ. भारत कुचेकर म्हणटात, “दर एका साहित्यकाराच्या साहित्याचेर ताची आपली जीण, परिवेश, बी गजालींचो परिणाम आसता. खंयचोय संवेदनशील साहित्यकार ह्या गजालीं पसून वेगळावपाक नज. देखून सगल्यांत पयलीं आमी ह्या गजालींचो विचार करून पळोवपाक जाय”.[1] कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या युगांत असलें खाशेलें कार्य केलां.

बरोवपी हो समाजाचो एक घटक आसता. आपल्या साहित्यांत आपले युगीन-जिणेचें चित्रण करप हें खंयच्याय संवेदनशील साहित्यकाराचें खाशेलपण आसता. ज्या समाजांत तो जल्मता, जे परिस्थितींत तो रावता, वाडटा, जें पळयता आनी अणभवता तांचो प्रभाव ताच्या व्यक्तितत्वाचेर पडटा आनी देखून ह्या सगल्यांचें पडबिंब ताच्या साहित्यांत लेगीत दिसता. हातूंत ताचें देह-मन, आचार-विचार, बुद्दी-अणभव, अणभवविश्व, सभ्यताय-संस्कृती, नीत-अनीत ह्या सगल्यांचो आसपाव जावन, हें सगलें एकठांय येवन ताचो एक दृश्टिकोण तयार जाता. आनी हो दृश्टिकोण जसो ताच्या साहित्यांत दिसता तसो ताचें व्यक्तित्व घडोवपांत म्हत्वपूर्ण थारता.

जर एकाद्र्या बरोवप्याची जीण खूब संघर्शांत गेली जाल्यार हे कठीण परिस्थितीचो जो अणभव तो घेता ताचें साहित्यांत चित्रण जाले बगर ताचें साहित्य पूर्ण जायना. समाजांत वेगवेगळ्यो जाती-पाती, रिती-परंपरा, सभ्यता-असभ्यता, आचार-विचार, देव-धर्म, विश्वास-

अविश्वास आसता. जेन्ना एकाद्रो बरोवपी असल्या समाजांत जल्मता, वाडटा आनी तातूंत वावूरता तेन्ना त्या समाजा कडेन ताचो लागशिल्लो संबंद येता आनी ताचो परिणामीक प्रभाव ताजेर लेगीत जाता. जितल्या प्रमाणांत समाजांतलो प्रभाव ताजेर पडटा तितलोच प्रभाव तो समाजाचेरूय घालता. देखून "मनशाच्या व्यक्तित्वाचे निर्मणेंत परिस्थितीची म्हत्वाची भुमिका आसता." अशें डॉ. धर्मध्वज त्रिपाठी म्हणटात.[2]

कथाकार चंद्रकांत केणी एक व्यक्ती म्हूण जरी विचार केलो जाल्यार, तांच्या कथा साहित्याचो अभ्यास करचे पयलीं तांचें व्यक्तित्व जाणून घेवप गरजेचें थारता. साहित्यकाराचें व्यक्तित्व आनी कर्तृत्व हें समाजांत रावून घडटा, देखून समाजाचो साहित्यकार आनी साहित्य घडोवपाक व्हड हातभार आसता. हांगा एक प्रस्न पडटा तो समाज म्हणल्यार कितें? तर Kathlen Heasman हांच्या उतरांनी सांगपाचें जाल्यार, समाज म्हणल्यार, *"Society is the study of them as members of the one of the many groups to which they belong, how they influence there group and how they themselves are affected by the groups of which they form part*".[3] समाज हो गतिशील आशिल्ले कारणान आपापल्या काळांत कितलेशेच साहित्यकार घडयत रावतलो.

## चंद्रकांत केणी - जल्म आनी भुरगेपण

चंद्रकांत केणी हांचो जल्म गोंयांत, तांच्या आजोळा, कुंकळे हांगा 26 नोव्हेंबर 1937 वर्सा जालो. श्री. शांताराम पांडुरंग केणी आनी सौ. प्रेमाबाय शांताराम केणी हांचो चंद्रकांत केणी हो दुसरो पूत. आपल्या जल्मा विशीं उलयतना कथाकार चंद्रकांत केणी सांगतात, "म्हजो जल्म गोंयांत एका हिंदू मध्यमवर्गी, रुढीवादी (conservative), रासवळ घराब्यांत जालो, गोंयांत तेन्ना पुर्तुगेझ राजवाट चलताली".[4]

चंद्रकांत केणींचें मूळ घर मडगांवा, पूण तांच्या आज्यान वेपारा खातीर कांसावले बिराड केल्लें. कांसावले गांवा विशीं खाशेलें आपलेपण चंद्रकांत केणींक आसलें हें तांचे लिखणेंत लेगीत दिसतालें. कांसावले गांवा विशीं उलयतना ते सांगतात, "ल्हानपणासावन कांसावले गांवाची म्हाका आपली वळख जाली. गांवांत वेगळेपण, मर्दी दोंगुल्ली आनी रेमेदीचे दोंगुल्ले भोंवतणी चारीय दिशांनी चार वाडे. कांसावली, आरशी, कुळेले, पाळी,

वेळसांव अशे सलग गांव एकामेकाकडेन बांदिल्ले आसात. जंय हांव रावतालों थंय सावन हें कपेल दिसता एका आंब्याची सत्री धरल्या, जशी बागेंत मोगरीं फुल्ल्यांत तशी. म्हजे पयले-वयले संस्कार चकचकीत हांगा जाले, त्या चार गांवांत वचपाक वेगळेवेगळे मार्ग - ‘पांजा’ म्हणटात तातूंत, खंयचेय पांजींत वयर सरल्यार निमाणेकडेन आमी दोंगुल्लेचे तेंगशेर पावतात, थंय व्हडलें पठार आसा”.[5]

कथाकार चंद्रकांत केणी हांचें पुराय भुरगेपण कांसावले गेलें. ह्या गांवांत तांचे भुरगेपण समृद्ध आनी संपन्न जालें अशें ते मानतात. ते सांगतात, “म्हजें सगलें भुरगेपण कांसावले गांवांत गेलें. संवसाराची पयली वळख आनी जिणेंतले पयले संस्कार हांवें त्या गांवाच्या वाठारांतच घेतले. थंयची दर्यावेळ आनी दोंगुल्ल्यो, झाडां आनी पेडां, मनशां आनी वझरे सगल्यांकडेन म्हजी एके तरेची संवकळ. एके एके वस्ती कडेन जिणेंतली एक अमुरपिकी याद घुसपल्ली उरल्या. आनी तांतुतूय रेमेतीच्या दोंगराकडेन तर म्हजें भावनीक नातें निर्मिल्लें आसा. थंयच्या दर एका झाडाक आनी तळपाक, कपेलाच्या प्राकारांत आनी सकयल्या वझऱ्याच्या म्हऱ्यांत चार वटांच्या चारूय पांजांनी... फातरा कणकणीं जिणेंतले मोलादीक खीण जोडिल्ले उरल्यात. भुरगेपणांत अभ्यास करपाच्या निमतान वा निखटें हेडपाखातीर जसो हांवें ते दोंगुल्लेचेर वेळ सारला, तेच भशेंन जाणटेपणांत लेगीत सुखाचे आनी खंतीचे खीण मनांत दाटून आयले तेन्ना तेच दोंगुल्लेचे फाटीर हांवें वेळ सारला. रेमेतीच्या दोंगरान म्हाका खूब खूब दिलें. केन्ना केन्नाय अशें दिसता, म्हजो पोसो उणो पडटलो. त्या दोंगराचें रीण जिणेंत फारीक जावचें ना....”[6] अशा ह्या सैमान नटिल्ल्या आनी संस्कृतायेन भरिल्ल्या गांवांत चंद्रकांत केणींचें भुरगेपण गेलें. तांच्या ह्या उतरांनी आपल्या गांवाचें वर्णन, तुस्त आनी व्हडवीक ते गायतात. तशेंच तांच्या भुरगेपणा सावन ते सैममोगी आसले हेंवूंय दिसून येता. तातूंत तांकां रेमेतीच्या दोंगरान खूब कितें दिलां अशें ते मानतात. ह्या दोंगरा वयलें सैम म्हणल्यार एक व्हड गुरू कसो आसलो अशें ते म्हणटात. ह्या सैमा कडल्यान शिकता आसतना ते ताच्या रिणांत उरले अशें मानतात.

कथाकार चंद्रकांत केणी आपल्या भुरगेपणांत खूब मस्ते आसले. तांकां भुरगेपणा सावन भोंवपाची खूब ओड आसली. नव्यो सुवातो, स्थळां पळोवपाची तांची ओड जीणभर

तांच्यांत उरली. गांवांतल्या भुरग्यां वांगडा ते खूब खेळटाले, तातूंत फुटबॉल हो तांचो खूब आवडीचो खेळ आसलो. केन्ना केन्ना ते गड्ड्यांनीय खेळटाले.[7]

गड्ड्यांनी खेळटनाचो एक अणभव ते सांगतात. ते सुरवेक 'भारतमित्रांत' कथा बरोवंक लागले तेन्ना लेगीत ते गड्ड्यांनी खेळटाले. गड्ड्यांनी खेळटा आसतना एक दीस विपरीत गजाल घडली. भारतमित्राचो संपादक नारायण भास्कर नायक वर्सुकी वर्गणी व्हरपाक कांसावले आयिल्लो. थंयच्या वर्गणीदारांची वर्गणी पुंजावन परत वतना तो बाजारांत एका दुकानार बसलो. दुकाना मुखारूच स्टेशन आसलें आनी थंयच पणसाचीं दोन झाडां आसलीं, त्या झाडांच्या मुळांत चंद्रकांत केणी कांय भुरग्यां वांगडा गड्ड्यांनी खेळटाले. तितले म्हणसर चंद्रकांत केणींक कोणेंतरी रकाद दिलो की भारतमित्राचो संपादक आयला आनी तो तांकां मेळपाक सोदता. कमरा वयलें गळटलें कालसांव एका हातान सांवरीत आनी दुसऱ्या हातांत गड्डे धरून तांणी तकली वयर करून पळयली. काळी तोपी आनी कोट-पुडवें न्हेशिल्ल्या मनशाचेर तांची नदर थिरावली. ताका पळयना फुडें चंद्रकांत केणी धांवत घरा गेले. कारण इतलेंच की जर संपादकान आपणाक गड्ड्यांनी खेळटना पळयलो जाल्यार आपल्यो कथा छापपाच्यो बंद करीत असो तांच्या मनांत भंय निर्माण जालो. पूण तशें कांयच जालें ना.[8]

भुरगेपणांत वाटेंतल्यान यो-वच करतना रेमेत सायबिणीच्या दोंगरार बोरां, काजू, तोरां, चुन्नां सारकीं फळां खाताले. ह्या सगल्यां परस खास आकर्शण म्हणल्यार त्या दोंगरार आशिल्लें खाजराचें झाड.[9]

तांच्या भुरगेपणांत तांच्या घरा कडेन 'सिरील' नांवाचो एक रेंदेर सकाळीं, दनपरां आनी सांजेचो येता-वतालो. सिरील रेंदेराचें वर्णन करतना ते म्हणटात, "सिरील म्हळ्यार गांवाचें एक मोठें प्रस्थ. त्या काळार रेंदेर काश्टी न्हेसून सूर काडूंक वताले. माड चडप आनी देंवप म्हळ्यार सोंपें काम न्हय. पूण सिरील तें व्हड खोशयेन करतलो. निदान तो खोशयेन करता अशें पळयतल्याक दिसतालें. तोंडान तो शिळोणी घालतालो ना जाल्यार एकाद्रें कांतार वा लोकगीत गायतालो." [10] सकाळीं तो खूब बेगीन येतालो, ताचीं कांतारां आयकून चंद्रकांत केणींक जाग येताली आनी तीं आयकूंक ते बेगीन उठ्ठाले.

दर एका मनशाचें भुरगेपण आपापले परीन खाशेलें आनी वेगळें आसता. ह्या भुरगेपणांत दर एका मनशाचे जिणेंत घडपी अणभव हे लेगीत विलक्षण आसतात. तातूंत कितलेशेच अणभव सूख-दुख्खांची याद करून दितात. अशोच तांच्या भुरगेपणांतल्यो कांय यादी 'प्रतिबिम्ब' पुस्तकांतल्या पयल्या निबंदांत चंद्रकांत केणींनी सांगल्यात. तातूंतली ही एक - रेमेतीच्या दोंगराचेर कुड्याचीं झाडां खूब प्रमाणांत आसलीं. तेन्ना कांसावले गांवांत विडयो वळपी कुटुंबां आसलीं. तांणी एकदां गांवताल्या भुरग्यांक सांगलें की जर कोणेंय आमकां कुड्याची पानां हाडूण दिलीं जाल्यार एका पोत्या फाटल्यान दोन रुपया दिवपाची आमची तयारी आसा. तेन्ना चंद्रकांत केणींक दोन रुपयां परस स्वताची जोड व्हडली दिसली. तशेंच फेस्त लागीं पावलें आनी फेस्ता आदीं थोडे पयशे बोल्सांत जाले जाल्यार फेस्ताची खोशी दोट्टी जातली हे नदरेन अशेच कांय भुरगे एकठांय जावन तीं पानां हाडपाक गेले. पोती पानांनी भरतकच जड जाली देखून ती हातांत घेवन सकयल येवचे परस वयल्यान सकयल धुकल्ल्यार सरळ सकयल देंवतली ह्या अर्थान सकयल सोडली. इतल्यान एका भुरग्याक आंब्याचेर तोरांचो घोंस दिसलो. एकल्यान ताजेर फातर शेवटून मारलो. त्या फातरा बाराबर तो सरळ सकयल पडलो खरो पूण मारिल्लो फातर एका म्होंवाच्या माल्याचेर वचून बसलो हें कोणाच्याच लक्षांत आयलें ना. कोणाक कांय कळचे आदींच म्होंवा मुसांनी भुरगे म्हणिनासतना तांचेर घुरी घाली. मुसां पसून वाटावपा खातीर वाट मेळत ते वटेन कुसांनी हुलपपी आंग घेवन सगळे धांवत दोंगर देंवले. ह्या बोवाळान तांणी भरून हाडिल्ल्या कुड्याच्या पानांच्या पोतयांचो तांकां विसर पडलो. आठ दीस मेरेन आंगाची सूज उरिल्ली. देखून चंद्रकांत केणी म्हणटात, जेन्ना जेन्ना ही घडणूक याद जाता तेन्ना तेन्ना आंगाक खाज सुट्टा आनी आंगाचेर कांटे उबे राविल्ल्याचो भास जाता.[11]

श्रावणी आयतरा संबंदांत चंद्रकांत केणींचो एक वेंचीक अणभव मेळटा तो असो, श्रावणी आयतार आयलो म्हणटकच फुलां, पत्री हाडपाचो आदेश भुरग्यांक मेळटालो. आयताराक कितलींशींच फुलां, पत्री लागताली. समवयस्क भुरगीं श्रावणी आयताराचें निमीत करून लोकांचीं पोरसां लुट्टालीं. ते खातीर तीं फांतोडेचो ब्रह्मम्हूर्त थारायतालीं. पेरां, तोंरगां आनी लिंबू काडपाचेर तांचो चड भर आसतालो. फुलांय आसतालींच. फुलांची रास

हाडून घरा कडेन रकयली म्हणटकच तांच्यो आवयो शिटकावणी दिताल्यो. पूण त्या शिटकावण्यांचो तांचेर कांयच परिणाम जाय नासलो अशें चंद्रकांत केणी सांगतात.[12]

भुरगेपणांत चंद्रकांत केणींक एक छंद आसलो तो म्हणल्यार, ओंवूळधडे पुंजावन खावपाचो. तांच्या घरा फाटल्यानच्या शेताचे धडेर एक ओंवळीचें झाड आसलें. शिंयाचे दीस आयले म्हणटकच ती ओंवळ ओंवूळधड्यांनी भरताली. बोरा आकाराचीं पाचवीं फळां पिकलीं म्हणटकच केसरी-तांबूस जातालीं आनी चिकवा भशेन रुचीक लागतालीं. तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणी आनी तांच्या वांगडच्या भुरग्यांक ओंवळां परस ओंवूळधड्यांचें आकर्शण चड आसतालें. केन्ना केन्ना तांचे मदलो कोणूय एकलो भुरगो ओंवळीचेर चडून ओंवूळधडे झडयतालो. उपरांत सगले जाण ते वांटून घेताले. सकाळीं बेगीन उठून ते ओंवळिणी कडेन गेल्यार मुळांत झडिल्ले ओंवूळधडे मेळटाले. देखून फांतोडेर बेगीन उठून ते धडे पुंजावपाचो छंद चंद्रकांत केणींक लागलो. त्या शिंयाच्या दिसांनी सकाळच्या वातावरणांत ओंवूळधडे पुंजावपाचो आनंद वेगळोच आसतालो. अर्द वराच्या कश्टांनी आठ-धा धडे मेळटाले. आनिकूय मेळचे अशें ते भुरगे पिरायेचेर तांकां दिसतालें. सकाळच्या पारा वयलें ते ओंवळिणीचें अपरूप वर्णन करतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "उदेंते कडेन वताचें किरण आयलें म्हणटकच त्या टवटवीत झाडाची सोबाय नदरेंत भरूंक लागताली. लुसलुशीत पोपटी आनीं पाचवीं पानां, मोतयां सरकीं वयर फुलिल्लीं ओंवळां आनी तांचे मर्दी पोपटाचे चोंची वरी तांबडी पिकिल्लीं फळां".[13]

जिणेंत भुरगेपण म्हणल्यार सगल्यांत चड उमेदीचें आसता. कारण त्या भुरगेपणांत मनीस आशा-निराशेचो अणभव घेता. भुरगेपणांत वेगळ्या वेगळ्या प्रसंगांतल्यान घेतिल्ले अणभव आनी तातूंतल्यान मेळपी गूण-दोश, संस्कार, हार-जैत हें सगळें जीण घडोवपांत संयोग दिता.

## आवयबापूय आनी घराबो

कथाकार चंद्रकांत केणींचो बापूय श्री. शांताराम पांडुरंग केणी (? -2007) आनी आवय सौ. प्रेमाबाय शांताराम केणी. तांकां सगळीं सात भुरगीं आसलीं आनी तातूंत

चंद्रकांत केणी दुसरे. तांचें कुटुंब हें सारस्वत वेपारी आसलें. चंद्रकांत केणींचें मूळ घर मडगांवां आसलें. पूण तांच्या आज्यान श्री. पांडुरंग केणी हांणी नाल्लाच्या वेपारा खातीर कांसावले बिराड केल्लें आनी थंयच स्थायीक जाले. चंद्रकांत केणींच्या बापायक वाचपाचो छंद आसलो देखून चंद्रकांत केणींच्या भुरगेपणांत तांकां कांय पुस्तकां वाचपाक मेळ्ळीं.

सर्गेस्त मनोहरराय सरदेसाय चंद्रकांत केणींच्या कुटुंबा विशीं सांगतना म्हणटात की, केणी घराबो मूळ मडगांवचो. कोंबवाड्यार जी केणयाल्या घराची वास्तू उबी आसा, ती मडगांवकारांच्या इतिहासाची गवाय दिता. जांबावलेच्या शिगम्याचो नाल्ल ह्या घरांत आदल्या दिसा पुजतात आनी दुसऱ्या दिसा तो घेवन मडगांवकार शिगमो खेळूंक जांबावले वतात. अशी मान्यताय आसा की, म्हाड्डांत जें दामोदराचें लिंग आसलें, तें जांबावले व्हरचे आदीं एक रात ह्या घरांत दवरिल्लें. ते इतिहासीक घडणुकेचो उगडास नाल्लाच्या रुपान मडगांवकारांनी अमर केला."[14]

जाल्यार अनिल पै केणी ह्या घराब्या विशीं अशें सांगतात, "केणी घराबो मूळ मडगांवचो. कोंबवाड्यार आशिल्लें तांचें घर इतिहासाची गवाय दिता. चारशीं वर्सां आदीं पुर्तुगेझांनी देवळां मोडपाचो अच्छेव सुरू केल्लो तेन्ना, माड्डा-फातोर्डा आशिल्ल्या श्री. दामोदर देवळाचेर तांची वायट नदर गेल्ली. तेन्ना म्हाजनांनी दामोदर लिंगाचो एक भाग काडून घेतलो आनी जांबावले गेले. ती रात तांकां केणयाल्या घरांत सारची पडली ताचो उगडास म्हणून जांबावलेच्या शिगम्याचो नाल्ल ह्या घरांत आदल्या दिसा पुजतात."[15] अशा एका व्हड घराब्यांत कथाकार चंद्रकांत केणींचो जल्म जालो.

कथाकार चंद्रकांत केंणींच्या बापायक वाचनाचो छंद आसलो देखून तांच्या भुरगेपणांत तांकां कांय पुस्तकां वाचपाक मेळ्ळीं. तशेंच शांताराम केणींक ज्योतीशविद्येची खूब ओड आसली. हे ओडीक लागून 1948 वर्सा ते मुंबय स्थायीक जाले. मुंबय ते कांदिवली रावताले. थंय वेगळ्या वेगळ्या ज्योतिशां कडल्यान तांणी ज्योतीशविद्या शिकून घेतली. पूण तातूंत तांचें समाधान जालें ना. उपरांत तांकां श्री. नारायण घोटीवडेकर हो वाज्रांचो वेपारी मेळ्ळो. ताका ज्योतीशविद्या बऱ्यांतली बरी समजताली. तांचे कडेन ते

शिकले. मागीर तांणी ज्योतीश वेवसाय चलोवपा खातीर प्रार्थना समाजाच्या म्हऱ्यांत जागो घेतलो आनी ज्योतीश सांगपाचें कार्य करपाक लागले.[16]

ते कितले व्हड ज्योतीशकार आसले हे विशीं माधव बोरकार सांगतात, "शांतारामबाब मुंबयंतले एक नामनेचे ज्योतिशी जाले. तांकां ज्योतीश विचारूंक येवप्यां मदीं सामान्य लोकां भशेन मुंबयतले गिरेस्त उद्देगपतीय आसले. इतलेंच न्हय तर कांय म्हत्वाच्या केसीं संबंदान मुंबय पुलीस तांचो सल्लो घेताले. हे संबंदान मुंबयचे आदले पुलीस कमिशनर रमाकांत कुलकर्णी हांणी आपल्या 'Footprints in the Sand of Crime' ह्या पुस्तकांत तांचे संबंदान बरयलां."[17]

मुंबय सुमार पन्नास एक वर्सां तांणी हो वेवसाय केले उपरांत वय जातकच ते आपली तकालस उणी करपाक गोंयांत आयले. गोंयांत येवन मडगांवां रावपाक लागले. 2005 वर्सा बारीकशें कारण जावन ते संवसाराक अंतरले. तांची घरकान्न सौ. प्रेमाबाय ही गृहिणी आसली.

चंद्रकांत केणींकूय कांय प्रमाणांत ज्यातीशविद्या येताली. आपल्या बापायच्या सहवासांत आसतना आनी तांच्या वेवसायाक हातभार लायतना थोड्या प्रमाणांत ते ही विद्या शिकिल्ले अशें अ. ना. म्हांबरे म्हणटात. हे विशीं ते सांगतात, 'एक दीस तो (चंद्रकांत केणी) अ. ना. म्हांबऱ्यागेर प्रभादेवी आयिल्लो. म्हांबरो घरांत नासलो देखून तांच्या शेजारा एक गुजराती कुटुंब रावतालें तांगेर वचून बसलो. ताका ज्योतिशविद्या येता हें कळटकच ते बायलेन आपली कुंडली हाडून ताका दाखयली. चंद्रकांत केणीन तिच्या जिवितांतल्यो सगल्यो घडणुको तिची कुंडली पळोवन सांगल्यो. दुसऱ्या दिसा ती बायल अ. ना. म्हांबऱ्याक सांगपाक लागली, तुगेल्या त्या इश्टाक ज्योतीश बरें कळटा. म्हज्या जिवितांतल्यो खूबश्यो घडणुको ताणें बारीकसाणेन सांगल्यो.[18]

शांताराम केणी हांचें ज्योतिशविद्येचें पुस्तक म्हणल्यार 'ज्योतिशसागर' जें तांच्या मरणा उपरांत म्हणल्यार 4 नोव्हेंबर 2008 वर्सा प्रकाशीत जालें. हें पुस्तक प्रकाशीत करून हाडपाक चंद्रकांत केणींचें खूब योगदान आसलें हें हे घडणुके वयल्यान कळटा. ते 4

नोव्हेंबराक मुताच्या त्रासाक लागून हॉस्पिटलांत आसले, तांचो वैजकी उपचार जावपाची खूब गरज आसली. तरी लेगीत त्या दोतोरा कडल्यान कांय वेळ मागून 'ज्योतिशसागर' ह्या तांच्या बापायच्या पुस्तकाच्या विमोचन सुवाळ्याक हजर रावले.[19]

## शिक्षण

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या भुरगेपणांत पुर्तुगेझ राज्य आसलें. गोंयांत पुर्तुगेझ कायद्या प्रमाणें मुळावें शिकप पुर्तुगेझ भाशेंतल्यानूच जावंक जाय आसलें, देखून चंद्रकांत केणींक शिक्षणाची सुरवात पुर्तुगेझ भाशेंतल्यान करची पडली. तांणी कांसावलेच्या सरकारी प्राथमीक शाळेंतल्यान 'सें गुंद ग्राव' म्हणजे पुर्तुगेझींतल्यान चवथी मेरेनचें शिक्षण घेतलें.

उपरांत कांसावलेच्याच 'सेण्ट फेलिक्स स्कूल' हातूंतल्यान तांणी इंग्लीश प्राथमीक शिक्षण घेतलें आनी फुडलें मॅट्रीक मेरेनचें शिक्षण 'पॉप्युलर इंग्लीश हायस्कुलांत' घेतलें.

चंद्रकांत केणींच्या शिक्षणा विशीं उलयता आसतना सुरेश वाळवे म्हणटात, "केणीबाबाचें औपचारीक शिक्षण चड जावंक नासलें. पूण अणभवाच्या विद्यापिठाचे ते द्विपदवीधर आसले. हिंदी, मराठी, कोंकणी, इंग्रजी, गुजराती आनी हेर भासांचेर प्रभुत्व. लेखणी बहुप्रसवा."[20]

## वैवाहीक जीण आनी गृहस्थाश्रम

1975 वर्सा चंद्रकांत केणींचें लग्न जालें. तेन्ना ते गोंय, भाशीकवाद, राष्ट्रमत आंदोलन आनी कोंकणी ओपिनीयन पोल ह्या आंदोलनांनी व्यस्त आसले. हीं कार्यां चालू आसतनाच तांचें लग्न थारलें. श्रीमती विनोदिनी सरदेसाय उपरांतची केणी ही तांची घरकान्न. उपरांत तांकां दोन चलयो जाल्यो - उविजा आनी प्रज्ञा.

कथाकार चंद्रकांत केणींक ह्या आंदोलनांक लागून भुरग्यां-बायलेकूय चड वेळ दिवपाक मेळनासलो. पूण तांची घरकान्न हे संबंदान केन्नाच कागाळ करिनासतना आपली घर-गृहस्थी सांबाळटाली. चंद्रकांत केणींक तांच्या वावरांत कसलीच आडखळ हाडिनासली. ह्या संबंदांन तांची धूव प्रज्ञा म्हणटा, "*Papa use to travel a lot and socialize a lot too! But I give a lot of credit to my mother for managing our home beautifully and*

*letting him do what he always loved doing the most - writing.*"[21] वैवाहीक जिणेंत तांचे बायलेन तांकां साहित्यीक कार्य आनी सामाजीक कार्य करपांत कसलीच बादा हाडली ना.

## चंद्रकांत केणींच्या - व्यक्तिमत्वाचीं भायलीं आंगां.

कथाकार चंद्रकांत केणींचें नांव घेताच दोळ्यां मुखार उबें रावता तें म्हणल्यार सदानंद सिताराम काणेकार हाणें केल्लें तांचें वर्णन. ते चंद्रकांत केणींचें वर्णन करतना म्हणटात, "... चंद्रकांतबाब आसतलो तिशींतलो तरणाटो. गोरो गोमटो, ओडलायण्या आंगलटीचो, काजळ घाल्लेवरी काळ्या काळ्या दोळ्यांचो. चार चवगांत उठून दिसणारो असो. तांच्याच कथां मदल्या एकाद्र्या तरूण नायका वरी तेन्ना तांचें व्यक्तित्व आसलें. मात्सो सो 'एंग्री यंग मॅन' कसो सो. आपणालेच तंद्रेंत आसणारो विचारमग्न कसो सो."[22]

चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तिमत्वाचें वर्णन करता आसतना रमेश भगवंत वेळुस्कार अशें म्हणटात, "चंद्रकांतबाबांची मूर्त सोज्वळ. खऱ्यानीच चंद्रा वरी शांत. .... त्या चेऱ्यार एक दुसऱ्या विशीं आपुलकी जाहीर करपी आभा आसली. तांकां ती आपाप प्राप्त आसली. ताका लागून तांकां पळयना फुडें पळयतल्याचेर एक प्रशांत परिणाम जातालो. तांच्या उतरांनी विद्वत्ताय गच्च भरिल्ली आसताली हाचो अणभव तांच्या उलोवपांतल्यान आयकतल्याक मेळटालो."[23]

## वेशभुशा

कथाकार चंद्रकांत केणींक सादे-सुदे कपडे घालपाक आवडटाले. भुरगेपणांत ते कालसांव-शर्ट घालताले. उपरांत तरणे पिरायेर गांधीवादी विचारक आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत रावून गांधी प्रभावाक लागून तांणी खादी कपडे घालपाक सुरवात केली आनी पुराय जिवीत ते गांधीवादीच रावले.

सुरेश वाळवे चंद्रकांत केणींच्या भेसा विशीं सांगतात, "केणीबाब कायम खादीधारी. दिल्ली-बिल्ली वचून येयले म्हणटकूच आंगाचेर नवो शर्ट दिसतालो. ऐन तरूणपणांत ते देखणे आसले की किशोर कुमाराची याद येताली. आवाजांत गोडी आनी वाणींत ओडी. गजाल तर खुलवून सांगपाची विलक्षण तांक तांचे कडेन आसली."[24]

## छंद

चंद्रकांत केणी जेन्ना राष्ट्रमताचे संपादक आसले तेन्ना तांकां तपकिरेचो छंद लागलो. ह्या छंदाक लागून ते वेळ मेळटा तेन्ना सणसणीत शिंको काडटाले आनी कचेरेंत आयले काय तांकां तपकिरेचो घमघम येतालो. तांचो हो तपकिरेचो छंद तांचे कडल्यान तांच्या हेर सहकाऱ्यांक लेगीत लागलो. तेन्नां तांणी राष्ट्रमताच्या डॅस्काचेर तपकीर भरिल्ली एक डबीच हाडून दवरली. तांचे सहकारी फकत फकांडां म्हणून चिमटीभर पूड नाकांत घालताले. केन्ना केन्ना, आपूण तपकीर ओडटां म्हणून तुमी ओडू नाकात असो सल्लो ते दिताले. तांकां तपकिरेचो छंद आसलो तेन्ना एक घडणूक घडली. एक दीस राष्ट्रमताचे कचेरेंत शिपायाक पांच धा नोटी पडिल्ल्यो मेळ्ळ्यो. हे पयशे कोणाचे हो विचार करिनासतना ते पयशे चंद्रकांत केणींचेच आसतले असो ताणें अदमाच काडलो. कारण त्या पयशांक तपकिरेचो वास येतालो.

हे विशीं सुरेश वाळवे म्हणटा, "केणीबाबाक तपकिरेचो छंद आसलो. सीताराम टेंगसे, दामोदर प्रभुदेसाय वा प्रसाद मळकर्णेकार बी व्हड सहकारी सदांच तांचे कडेन पूड मागताले, ती नाकांत घालून सडासड शिंको काडटाले. आपणाक (सुरेश वाळवेक) लेगीत तो मोह जातालो. पूण आपले परस व्हड सायबा कडेन पूड कशी मागतलो! नाकाक कांयच जायनासतना नाक चोंदलां असो हांव अभिनय करतालों. मागीर स्वता केणीबाबाक आपल्या हातान चिमटीभर तपकीर दिवची लागताली. म्हणटकच कितेंसो हात फुडें येतालो. तो कचेरेंत आयलो की तपकिरेचो घमघम सगळ्याक पसरतालो."[25] पूण उपरांत जेन्ना ते वाराणसीक वचून गंगास्नान करून आयले तेन्ना तांणी हो छंद सोडून दिलो.

## वक्तो

चंद्रकांत केणी एक बरे वक्तो आसले. तांकां उलोवपाची आवड ल्हानपणा सावन आसली. हे विशीं उलयतना दत्ता नायक म्हणटात, "*Keni was also a very good speaker. His speeches were never provocative and passionate. They were calm and composed like his personality.*"[26] चंद्रकांत केणींची उलोवपाची पद्दत सादी आनी

सरळ आसली. अमकोच मुद्दो कशे तरेन पटोवन दिवचो हें तांकां बरे तरेन जमतालें. ह्या संबंदान मनोहरदास सुर्लकार म्हणटात, "केणीबाब एक बरे प्रभावी अशे वक्ते आशिल्ले. तांचें खंयचेय भाशेंतलें भाशण आयकन दिसतालें. मोतयांची सुबक माळ कशी तांची शब्दांची फेक आसताली. तांचें वाचन अगाध आशिल्ल्यान आपल्या भाशणांत ते जायतीं उदाहरणां दिवन अथवा काणी सांगून भाशणांत रंग हाडटाले. तांची वाणी स्पश्ट आनी रसाळ आशिल्ली. ते जितली बरी कोंकणी आनी मराठी उलयताले तितल्याच प्रभावीपणान ते हिंदीय उलयताले."[27]

## भोंवडेकार

कथाकार चंद्रकांत केणींक भोंवपाक खूब आवडटालें. ते पुराय भारतभर भोंवल्यात आसतले. तशेंच ते लण्डन, ब्रिटन, सावथ आफ्रिका, नोरवे सारक्या देशांनी भोंवल्यात. तांचे हे भोंवडेचो नियाळ पळोवन मुजरत एके कवितेचो उल्लेख करीन दिसता.

"एक आसलो संपादपी
ताका लोक म्हणटाले
भोंवती भागिरथी
चार म्हयन्यांतल्यान
तो काडी एक मासीक
ताचें नांव
कोंकण भारती"[28]

चंद्रकांत केणी ही कितली बरी व्यक्ती हें तांकां जाणें लागीं सावन पळयला ताका बरे तरेन कळ्ळे बगर रावचें ना. तांकां मेळपी दर व्यक्तीक तांचो स्वभाव जाणवतलो. तांच्या स्वभावाचीं आंगां म्हणल्यार विनम्रताय, संवेदनशीलताय आनी सहज उलोवपाची तरा आसलीं. चंद्रकांत केणी हे गांधीवादी आसेल. तांच्या ह्या व्यक्तित्वाचेर उजवाड घालता आसतना सद्गुरू पाटील म्हणटात, "पत्रकार, लेखक म्हणून तांची उंचाय व्हड आसलीच पूण मनीस म्हूण लेगीत तांची उंचाय खूब व्हड आसली. तांच्या व्यक्तिमत्वांतलो निरअहंकारीपणा वा नम्रताय चड भावताली हें वेगळें सांगपाक नाका."[29]

कथाकार चंद्रकांत केणी ही एक अशें व्यक्तिमत्व आशिल्ली व्यक्ती जी गोंयच्या राजकी, अर्थीक, सामाजीक, संस्कृतीक, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मळाचेर वावूरली. गोंय प्रांताक वेगळें अस्तित्व मेळचें म्हूण आनी कोंकणी भाशे खातीर पोट तिडकीन वावूरल्यात. आपले खाशेले शैलेंत कथा आनी ललीत लेखन करतना सरभोंवतणच्या सामाजीक, राजकी परिस्थितीचेर परखडपणान आपले विचार व्यक्त करीत रावले. गोंय एक वेगळे अस्मितायेचो प्रदेश म्हूण तांचे लेखणेंत सदांच दिसतालें. तांच्या विचारांनी आनी आचारांनी प्रादेशीक अस्मिताय केळोवपाचो एक चळवळीक विचार दिसतालो. ते केन्नाच निवृत्त जाले नात. जिणेच्या निमण्या वेळा मेरेन कार्यशील रावले. ह्या संबंदान आयरीश रॉड्रिग्स अशें म्हणटात, "*Chandrankant Keni never retired. He always had the zeal and determination to keep going. He was an outstanding writer who penned in Konkani, Marathi, Hindi and English. His writing was thought-provoking and his language was simple, clear and comprehensible to the Aam Aadmi.*"[30]

## निश्कर्श:

निश्कर्शाच्या स्वरुपांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणी हे एक प्रतिभासंपन्न साहित्यकार आसले. तांचो जल्म रुढिवादी रासवळ कुटुंबांत जालो, जेन्ना गोंयांत पुर्तुगेझ राजवाट आसली. तांचें पुराय भुरगेपण गोंयांत कांसावले ह्या गांवांत गेलें. भुरगेपणा सावन सैमाचो मोग आशिल्ल्या चंद्रकांत केणींक कांसावले गांवा विशीं एक वेगळी ओड निर्माण जाली. औपचारीक नदरेन चंद्रकांत केणींचें शिक्षण चड जावंक नासलें पूण अणभवाच्या बळाचेर तांणी भाशेचेर प्रभुत्व मेळयलें. तांच्या बाह्य व्यक्तित्वांत आनी आंतरीक व्यक्तित्वांत एक समानताय दिसता. विनम्रताय, संवेदनशीलताय, सहज उलोवपाची तरा आनी संकोच हीं तांच्या स्वभावाचीं कांय खाशेलीं आंगां आसात. गांधीवादी विचारा वांगडा ते एक बरे वक्ते आनी भोंवडेकार आसले.

***

## संदर्भ


1. डॉ. कुचेकर, भारत. भीष्म साहनी, व्यक्तित्व एंव कृतित्व. विनय प्रकाशन, कानपूर; 2004. पान क्र. 9
2. डॉ. त्रिपाठी, धर्मध्वज. प्रेमचन्द्र : कथा सहित्य समीक्षा और मुल्यांकन. प्रेम प्रकाशन मंदिर, दिल्ली; 1993. पान क्र. 60.
3. Kathlen, Heasman, The Study of Society. London Gerorge Allen & Unwin Ltd; 1973. पान क्र.11.
4. ....... Goa Today. 2007, January. पान क्र . 11. लेखः Dreams Fulfilledः Keni, Chandrakant.
5. चंद्रकांत केणीः मुलाखत (भासाभास).
6. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां - फेस्त. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र.12.
7. चंद्रकांत केणीः मुलाखत (भासाभास).
8. ....... जाग. जानेवरी 1999. पान क्र.21. लेखः म्हाका कोंकणी दिक्षा कोणें दिली?ः केणी, चंद्रकांत.
9. केणी, चंद्रकांत. प्रतिबिम्ब. Majestic Prakashan, Mumbai; 1994. पान क्र.14.
10. ...... बिम्ब. दिवाळी अंक 2006. पान क्र.10. लेखः यादीः कांय कोडू, कांय गोडः केणी, चंद्रकांत
11. केणी, चंद्रकांत. प्रतिबिम्ब. Majestic Prakashan, Mumbai; 1994. पान क्र.14.
12. ...... जाग. सप्टेंबर 2000. पान क्र.11. लेखः उगडासाचीं ल्हारांः केणी, चंद्रकांत.
13. तत्रैव;
14. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र.17. लेख: चंद्रकांतबाब केणी ..... एक जिवीतयात्रा: सर्गेस्त डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय.
15. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र.66. लेखः भौरंगी व्यक्तिमत्व चंद्रकांत केणीः पै, अनिल.

16. ...... जाग. ओगस्ट 2007. पान क्र.10. लेख: शांतारामबाब केणी: कांय यादी: म्हांबरो, अ. ना.

17. ...... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 43 -45. लेखः सगळ्या व्यापांनी ....: बोरकार, माधव.

18. ....... जाग. फेब्रुवारी 2009. पान क्र. 10. लेखः एका इश्टाची कथाः म्हांबरो, अ. ना.

19. ....... Goa Today. March 2009. पान क्र. 26. लेखः Relationships above all else: Bhatkuly, Harshvardhan.

20. ....... गोमन्तक. फेब्रुवारी 8, 2009. पान क्र. 6. लेखः द्रष्टाः राजस सुकुमार मदनाचा पुतळाः वाळवे, सुरेश.

21. .... Goa Today. March 2009. पान क्र. 28. लेखः Papa - my biggest strength: Naik, Pradnya.

22. काणेकार, सदांनद सीताराम. ओपिनीयन पोल. त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी; 2005. पान क्र. 59.

23. ....... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 41. लेखः चंद्रकांत यादीः वेळुसकार, रमेश भगवंत.

24. ....... गोमन्तक. फेब्रुवारी 8, 2009. पान क्र. 6. लेखः द्रष्टाः राजस सुकुमार मंदनाचा पुतळाः वाळवे, सुरेश.

25. तत्रैव;

26. ...... Goa Today. March 2009. पान क्र. 24 -25. लेख: Man with Roots and Wings: Naik, Datta D.

27. ........ जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 59 - 61. लेखः चंद्रकांतः गोंयांतलो हिंदी भाशेचो प्रसारः सुर्लकार, मोहनदास.

28. ....... कुळागर. अंक जून 1980. पान क्र. 31. लेखः नानूली काणीः म्हांबरो, अ. ना.

29. ....... गोमन्तक. फेब्रुवारी 8, 2009. पान क्र. 7. लेखः केणीबाब !: पाटील, सद्गुरू.

30. …... Goa Today. March 2009. पान क्र. 5.

## 1.2 कोंकणी, हिंदी, मराठी आनी इंग्लेज भासांनी पत्रकार

आशिया खंडांत सगल्यांत पयलो-वयलो छापखानो (1556) बसोवपाचें काम जरी गोंयांत जालें तरीय गोंयांतलें (कोंकणींत) सगल्यांत पयलें खबरापत्र छापून आयलें ना. हाजें एक कारण म्हणल्यार पुर्तुगेझ राजवाटीन सेन्सरशीप कायदो चालीक लायिल्लो. ह्या कायद्याक लागून लोक चिड्डून उरले. तांकां कोणाकूच आपले विचार मेकळेपणान उकते करपाक मेळनासले.

अशा ह्या सेन्सरशीप कायद्याचें वातावरण चंद्रकांत केणींनी आपल्या ल्हानपणांत पळयिल्लें. समाजांत रावपी एक व्यक्ती वा घटक म्हूण अशा सामाजीक-राजकी वातावरणांत तांणी आपले साहित्यीक आनी पत्रकारीक जिणेची सुरवात केली. तांची साहित्यीक जीण जितली म्हत्वाची थारता तितलीच म्हत्वपूर्ण जीण पत्रकारितेचीय थारता. चंद्रकांत केणी स्वता ह्यो दोनूय जिणो वेगळ्यो अशें मानतात. हें करपा खातीर तांकां दोट्टी भुमिका करची पडटा अशें ते म्हणटात. “कथाकार आनी पत्रकार हांचो पिंड वेगळो. गितेंतल्या स्थितप्रज्ञावरी पत्रकार भावनांच्या भोंवऱ्यांत आपूण घुसपना. देगे वयल्यान व्हांवत्या प्रवाहाचो थाव घेता, जाल्यार कथाकार मनान आनी देहान त्या भोंवऱ्यांत बुचकळ्यो खाता वा केन्ना केन्नाय व्हांवत्या प्रवाहा आड पेंवता. देखून कथाकाराल्या व्यक्तिमत्वाची सावळी कथेचेर पडटा. पूण पत्रकार हो संजयाचे तटस्थतायेन कुरुक्षेत्रावेले लढायेचें वर्णन करपी आसता. ताका लागून अक्षरांच्या संवसारांत वावूरतना म्हाका दुहेरी भुमिका करची पडटा.”[1]

चंद्रकांत केणींचें नांव जितलें साहित्यीक म्हूण गाजलें तितल्याच स्वरुपांत एक शैलिदार पत्रकार म्हूण फांकलें, जे सदांच प्रसन्न, साद्या आनी रेखांकीत भाशेंत बरयताले.

चंद्रकांत केणी जेन्ना मॅट्रिकेचें शिक्षण घेवपा खातीर मडगांवां आयले तेन्ना मडगांव चलतल्यो तरेकवार प्रवृत्ती तांकां लागीं सावन पळोवपाची संद मेळ्ळी. तातूंत मुखेल अशें म्हणल्यार मडगांव हायस्कुलांत शिकता आसतना 1946 वर्सा लोहिया मैदानाचेर गोंय मुक्तीच्या निमण्या वेळार डॉ. राम मनोहर लोहियांनी तांचेर केल्लो प्रभाव.[2] तातूंत दोन वाचपघरांत (सारस्वत ब्राह्मण समाजाचें वाचनघर - आयचें गोमंत विद्या निकेतन आनी

दामोदर वाचन मंदिर) बसून ते तरेकवार पुस्तकां वाचताले. ह्या वातावरणांत तांकां बरोवपाची ओड निर्माण जाली. हांगाच हिंदी भाशेचें आकर्शण निर्माण जालें आनी तिचो अभ्यास ते करपाक लागले. पत्रकारितेक तांची मुळावी सुरवात सोळाव्या वर्सा सावन जाली. जेन्ना ते हायस्कुलांत शिकताले तेन्ना त्या हायस्कुलांतल्यान एक हस्तलिखीत म्हयनाळें भायर सरतालें, ताचे ते संपादक आसले. तातूंत कांय कथा, लेख, कविता, हेर साहित्य उजवाडाक येतालें.[3]

मुंबय 'साळीक' हें कोंकणी म्हयनाळें चलतालें. मुंबय गेले उपरांत थंय ह्या कोंकणी म्हयनाळ्याच्या वावरांत तांचो हातभार लागलो (वावर - लेखन सुदारणा करप). हातूंत तांचें कांय साहित्य उजवाडाक येतालें. तातूंत तांची 'गुप्ती' ही कथा पयलींच छापून आयली.[4]

उपरांत चंद्रकांत केणी मुंबय आकाशवाणी केंद्राच्या कोंकणी विभागांत वर्सभर काम करताले. तेन्ना हेर खबरो कोंकणीत हाडपाचो वावर तांणी केलो. तशेंच मुंबय सावन भोवमानेस्त रवीन्द्र केळेकार 'गोमन्त भारती' (1959) नांवाचें नेमाळें रोमी कोंकणींतल्यान उजवाडाक हाडटाले. ह्या नेमाळ्याचो पुराय वावर गोंयचे मुक्ती चळवळीक ओंपिल्लो. तशेंच रवीन्द्र केळेकारांचें आनी चंद्रकांत केणींचें लागचें नातें आसलें देखून 'गोमन्त भारती' ह्या नेमाळ्याच्या वावरांत तांचो हातभार लागलो.

उपरांत मुंबय आपल्या संघर्शीत काळांत चंद्रकांत केणी आपल्याक एक नोकरी सोदताले. भोवमानेस्त श्री. रवीन्द्र केळेकारांचे आनी चंद्रकांत केणींचे दाट्याचे संबंद आसले. देखून चंद्रकांत केणींनी तांकां आपल्या कामाची अडचण सांगली. रवीन्द्र केळेकार आनी पद्मविभूषण आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांचे लागसारचे संबंद आसले. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांक आपल्या हस्तलिखिताचें काम करपा खातीर एका मनशाची गरज आसली. तेन्ना रवीन्द्र केळेकारांचे वतीन चंद्रकांत केणी आचार्य काकासाहेब कालेलकारां कडेन हस्तलिखिताचें काम करपाक लागले. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांक आपल्या हातांत लेखन करपाक सामकी उबगण येताली देखून आपलें साहित्यलेखन करपाक मनीस दवरून तांचे कडल्यान आपल्या हस्तलिखिताचें काम करून घेतलें.[5]

आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या फुडारपणाखाला ‘सन्निधी’ची ‘गांधी हिन्दुस्तानाची प्रचार सभा’ ही संस्था हिंदुस्तानी प्रचाराचो, भाशीक समन्वयाचो वावर करताली. 1950 वर्सा सावन हिंदुस्तानाच्या प्रचाराचे सभे खातीर एका मुखपत्राच्या स्वरुपांत ‘मंगल-प्रभात’ नांवाची एक पत्रिका चलोवपाक सुरवात केल्ली. तातूंत आचार्य काकासाहेब कालेलकरांची प्रतिभा आनी चिंतनां दिसतालीं. ‘मंगल-प्रभात’ ह्या पत्रकाच्या हस्तलिखीत कामांत चंद्रकांत केर्णींचो हातभार लागलो (आचार्य काकासाहेब कालेलकार डिक्टेट करताले आनी चंद्रकांत केणी बरोवन घेताले.)[6]

आचार्य काकासाहेब कालेलकार एक शैलिदार लेखक आसले, तशेंच तांचें लेखन प्रसन्न, सुभग, रेखीव उतरांनी आनी सादे भाशेंत आसतालें. तांचे हे गूण चंद्रकांत केर्णींनी आत्मसात केले. उपरांत जेन्ना एक वेवसायीक पत्रकार म्हूण चंद्रकांत केणी स्थापीत जाले तेन्ना तांचे पत्रकारितेंतले लेखणेंत आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचे हे गूण आनी तांचो प्रभाव दिसपाक लागलो. हाचेर प्रा. रवीन्द्र घवी म्हणटात, “राष्ट्रमताचे संपादक चंद्रकांत केणी हे शैलिदार बरोवपी आसात. काकासाहेबां सारके प्रसन्न, सुभग, रेखीव भाशेंत तांचें बरप चालूच आसा.”[7]

उपरांत दिल्लीक आसतना तांचो वर्तमानपत्रां कडेन संबंद येवपाक लागलो. तांचे इश्ट जे वर्तमानपत्रांनी काम करताले वा जांचो संबंद वर्तमानपत्रां कडेन आसलो तांच्या उत्तेजनाक लागून तांणी ह्या वर्तमानपत्रांनी बरोवपाक सुरवात केली. (तातूंत चडशे विशय गोंया संबंदी आसले) तातूंत कथा, ललीत लेख, निबंद, हेर साहित्य प्रकार आसपावतात. हें बरप तांणी हिंदी भाशेंतल्यान केलें. ते ‘नई कहानियाँ’ (साप्ताहिक), ‘हिन्दुस्थान’, ‘धर्मयूग’ ह्या वर्तमानपत्रांनी बरोवपाक लागले. तशेंच ह्या काळांत तांची ‘हिप्पी चली’ ही कथा पयलेच फावट हिंदींतल्यान छापून आयली.

दिल्लीक आसतना तांकां पत्रकारिते विशीं ओड निर्माण जावपाक लागली, देखून तांणी दिल्ली विद्यापिठांतल्यान जर्नलिझम (पत्रकारितेचो) कोर्स केलो आनी डॉ. व्ही. के., आर. व्ही. राव हांणी खास पालव दिवन तांकां अभ्यासक्रमांत वचपाक प्रवेश मेळोवन दिलो. उपरांत कांय म्हयने ‘टायम्स ऑफ इंडिया’ आनी ‘इंडियन एक्सप्रेस’ ह्या खबरांपत्रांनी ते कामाक रावले.[8] हांगा तांणी वेवसायीक नदरेंतल्यान पत्रकार जावपाचें प्रशिक्षण घेतलें.

1961 वर्सा गोंय मुक्त जातकच गोंयांत नव्या नव्या वर्तमानपत्रांचो जल्म जावपाक लागलो. गोंयांतली पुर्तुगेझ राजवाट सोंपतकच सेन्सरशिपीचो कायदोय सोंपलो. मुक्त गोंयांत मडगांव सावन डिसेंबर 1962 वर्सा चंद्रकांत केणींनी 'त्रिवेणी' सातोळें काडलें. ताचें संपादन स्वता चंद्रकांत केणीच करताले. तें हिंदी, कोंकणी आनी मराठी अशा तीन भासांतल्यान येतालें. ह्या सातोळ्या विशीं उलयतना प्रा. रवीन्द्र घवी म्हणटात, "गोंयांतल्या पत्रसृश्टींत त्रैभाशिकतेचो एकचार घडोवन हाडपाचो उपक्रम त्रिवेणीन केला. पूण तो अल्पजिवी थारलो."[9] उपरांत कवितांचें 'ऋतू' हें दोनम्हयनाळेंय तांणी चलयलें.

1961 वर्सा गोंय मुक्त जातकच गोंयांत एक सामान्या भायली परिस्थिती निर्माण जाली. अशे हे सामान्या भायले परिस्थितीक तोंड दिवपाक चंद्रकांत केणींनी पत्रकार म्हूण सुरवात केली. ह्या काळांत तांच्या मुखार कांय आव्हानां उबीं रावलीं. तीं पेलून ते मुखार गेले. तातूंत कोंकणी भाशेक देशांत तिचो एक हक्काचो प्रदेश जोडून दिवपाचो वावर, तशेंच ह्या प्रदेशाक कोंकणी संस्कृतीक अभिव्यक्तीची आनी राजकारभाराची मुखेल भास म्हूण पांवडो जोडून दिवपाचो जो वावर चल्लो, तातूंत तांचो मोलदीक हातभार पत्रकारिते वरवींच लागलो.

गोंय मुक्ती उपरांत 1963 वर्सा गोंयांत एक वेगळोच वाद निर्माण जालो तो म्हणल्यार गोंय विलिनीकरणाचो - गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करप आनी मराठी ही राजभास करप. तेन्ना कांय म्हालगड्यांक गोंय वेगळें उरचें आनी कोंकणी राजभास जावची अशें दिसलें. तातूंत चंद्रकांत केणी एक आसले.

गोंयच्या महाराष्ट्रांत विलिनीकरणाक विरोध आनी ते खातीर कोंकणी ही गोंयची राजभास ह्या धोरणाचेर पत्रकारितेच्या संवसारांत 'राष्ट्रमत' नांवाच्या दिसाळ्याचो जल्म जालो. पूण हें दिसाळें मराठींतल्यान आसलें. तें मराठींतल्यान येवपाक मुखेल कारणां आसलीं हे विशीं रवीन्द्र केळेकार सांगतात, "...त्या वेळार लोकांक कोंकणी वाचपाची व्हडलिशी संवकळ नासली. गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करूंया म्हणपी एक व्हडलो धर्म आसलो. तांचें मत बदलूंक जाय जाल्यार तो वाचता तेच भाशेंतल्यान तांकां वेगळ्या राज्याचे मुद्दे पटोवन दिवपाची गरज आसली."[10] देखून 'राष्ट्रमत' मराठींतल्यान आयलें.

'राष्ट्रमता'चो जल्म एका विशिश्ट धेया खातीर जाल्लो अशें म्हणपाक जाता. गोंयचें वेगळें अस्तित्व आनी कोंकणी भास हो मुद्दो भौसा मेरेन पावोवपा खातीर वर्तमानपत्र जाय आसलें खरें पूण ते परस विरोधी वर्तमानपत्रांतल्यान संघप्रदेशा वयल्यान जी टिका जाताली तिका जाप दिवपा खातीर एक पत्र जाय आसलें, अशी भुमिका मूळ धरपाक लागली तेन्ना राष्ट्रमताचो जल्म जालो.

उपरांत तेन्ना रवीन्द्र केळेरकार, बाकीबाब बोरकार, चंद्रकांत केणी, श्रीपाद घार्से, नागेश करमली आनी हेर जायत्यो समविचारी व्यक्ती एकठांय येवन संघप्रदेशवाल्यांची भुमिका उखलून धरपाक एक मुखपत्र काडचें अशें थारायलें. सुरवातीक म्हयनाळें वा सातोळें सुरू करचें अशें थारायलें. पूण चंद्रकांत केणीं खातीर 'राष्ट्रमत' हें दिसाळ्याच्या स्वरुपांत आयलें. चंद्रकांत केणींच्या फुडारपणान राष्ट्रमत दिसाळें सुरू करपाचें थरलें हें खरें आसलें तरी ताची सुरवात करपाक भांडवल जाय आसलें आनी तें कशें मेळोवपाक जाता हाचेर विचार जाताले. तो एक व्हड प्रस्न आसलो. ह्याच काळांत बांदोडकाराच्या सरकाराक कांय प्रतिस्पर्धी आसले, तातूंत सर्गेस्त वासुदेव साळगांवकार बांदोडकारांचो विरोध करपाक एक वर्तमानपत्र काडपाचो विचार करताले. तशेंच वासुदेव साळगांवकार गोंय संघप्रदेश जावचो ह्या मताचे आसले. अशे रितीचें खबरांपत्र सुरू करूंक सोदता हें सांगतकच वासुदेव साळगांवकार ह्या खबरांपत्राक फायनान्स करपाक तयार जाले. पूण ह्या खबरांपत्राक एकूच फायनान्सर नासलो. वासूदेव साळगांवकारां वांगडा रामकृष्ण साळगांवकारूय आसले. तशेंच तीन तिंबले आसले. गुरुदास तिंबले, पांडुरंग तिंबले आनी मधू तिंबले, आनी दोन खुशालदास शांतीलाल खुशालदास आनी बाप्पालाल खुशालदास.[11]

'राष्ट्रमत' सुरू करपाक जांचो व्हड हातभार लागलो ते म्हणल्यार, 'दैनिक मराठा'चे सहसंपादक अण्णा फणसे. तांची गांठ कशी घडली हे विशीं चंद्रकांत केणी बारीकसाणीन सांगतात, 1963 वर्साच्या एप्रील म्हयन्यांत राष्ट्रमत सुरू करपाचो निर्णय जालो, पूण तेन्ना स्वतंत्र खबरांपत्र चलोवपाचो कसलोच अणभव तांच्या मदल्याक नासलो. चंद्रकांत केणी तेन्ना दिल्लींतल्या एक्सटर्नेल अफॅर्स खात्यांत काम करताले. त्या दिसा ते मुंबयच्यान

दिल्लीक वचपाचे आसले. तांणे आपल्या मुंबयच्या एका इश्टाक - कृष्णा करवार हांकां आपल्या खबरांपत्राची अडचण सांगली आनी कृष्णा करवारांनी ती अडचण सोडोवपाचें उतर दिलें. चंद्रकांत केणींची दिल्ली वचपाची गाडी सुटपाक दोन वरां आसलीं तेन्ना कृष्णा करवारांनी चंद्रकांत केणींक (तांचे बाराबर शंकर भांडारी आसले) वृन्दावन हॉटेलांत मेळपाक आपयले. कृष्ण करवार आपले बाराबर एका गोऱ्याशा तरनाट्याक घेवन आयिल्ले, जाची वळख तांणी अण्णा फणसे, 'दैनिक मराठा'चे सहसंपादक अशी करून दिली. तांची वळख आयकून दोगांच्याय (चंद्रकांत केणी आनी शंकर भांडारी) काळजांत घस्स जालें. दोंगांचेय मतींत एकूच प्रस्न उपरासलो. "मराठींत काम करतल्या मनशाक संघप्रदेशवाल्यांची भुमिका कशी पट्टली?" इतल्यान अण्णा फणसेंनी तांकां विचारलें, "तुका नवीन दैनीक कित्याक काडपाचें आसा?" तेन्ना चंद्रकांत केणींनी स्पश्ट जाप दिली. "आमचो महाराष्ट्राक विरोध ना पूण आमकां गोंय वेगळें जाय. मराठीकय विरोध ना पूण कोंकणीक मान्यताय जाय." तेन्ना अण्णा फणसेंनी आपलो अभिप्राय व्यक्त करता आसतना म्हणलें, "शी! शी!! अशें करून चलपाक ना, गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करपाक सारको विरोध वा कोंकणी सोडून खंयचेच भाशेक स्थान ना. अशी भुमिका घेतली जाल्यार तुमचो पेपर चलतलो."[12]

अण्णा फणसे हे व्हड मराठी पत्रकार, तांणी राष्ट्रमताची मुळावण घालून दिली. अण्णा फणसे त्या वेळार आपूण स्वता गोंयांत आयले. राष्ट्रमताच्या वावूरप्यांक पत्रकारितेच्या वावराचें प्रशिक्षण दिलें. तांणी आपले बाराबरच्या 'दैनिक मराठां'तल्या जगन फडणीस आनी प्रफुल्लकुमार मोकाशी हांकां राष्ट्रमतांत हाडले. अशा ह्या प्रशिक्षणाचेर राष्ट्रमताचो अंक व्हडल्या आकारांत साद्या पानांचेर भायर सरलो. ह्या संबंदान सीताराम टेंगसे म्हणटात, "गोंयांत पत्रकारिता आनी पत्रकारांक तयार करपाचें व्हड काम केलां तें म्हणल्यार चंद्रकांतबाब केणीन. एका तेपार गोंयच्या दिसाळ्यांत काम करपा खातीर गोंयकार नाशिल्ल्यान भायल्यान लोक हाडचे पडटाले. पूण केणीबाबान राष्ट्रमत दिसाळ्यांतल्यान हो उणाव भरून काडलो. कोंकणी तशेंच मराठी लेखकांक ताणें माची आनी उर्बा दिवपाचें काम केलें."[13]

राष्ट्रमताच्या धोरणा विशीं चंद्रकांत केणी म्हणटात, “आपलीं धेयधोरणां राष्ट्रमतान पयल्या दिसाच अग्रलेखांत सरळ शब्दांनी मांडिल्लीं. एके तरेन राष्ट्रमताचो आनी कोंकणी चळवळीचो तो जाहिरनामो आसलो. विलिनीकरणाक विरोध करप म्हळ्यार तळपार तकली आपटून घेवप, असो सल्लो कांय जाण आमकां दिताले. पूण आमचो आत्मविश्वास जबरदस्त आसलो. आमकां एके वेगळे तरेची पत्रकारिता गोंयांत सुरू करपाची आसली. ‘न्यूज इज सेक्रेड, कॉमेण्ट फ्री’, बातमी पवित्र आसता, ती आमकां आवडूं ना आवडूं, आमी ती छापूंक जाय आनी ते बातमेंतलें कांय आवडलेंना जाल्यार ताजेर आमच्या स्तंभांतल्यान जाप दिवपाचो अधिकार संपादकाक उरता, ह्या तत्वांचो भंग करिनासतना दुसऱ्या मराठी वर्तमानपत्रांनी चलयिल्लो विखारी प्रचार खोडून काडपाचें कार्य राष्ट्रमताक करचेलें आसलें.”[14]

चंद्रकांत केणी राष्ट्रमताचे संपादक कशे जाले हे विशीं जाणून घेवया. चंद्रकांत केणी राष्ट्रमताचे पयले-वयले संपादक जालेना, कारण तेन्ना ते दिल्लीक सरकारी निमसरकारी संस्थांच्या कार्यां कडेन सलग्न आसले, देखून अधिकृतपणान राष्ट्रमत संपादकाची जबाबदारी ते स्वता आपणावंक शकलेना. तेन्ना वसंत वैकुंठ कारे हांकां संपादकपद स्विकारपाक सांगलें. श्री. वसंत वैकुंठ कारे हांणी आपली स्थीर नोकरी सोडून तें पद स्विकारलें. पूण ते चड काळ संपादक पदार उरलेनात. हाजें कारण म्हणल्यार श्री. वसंत वैकुंठ कारे हे एक मवाळ व्यक्तित्व आशिल्ले मनीस आसले. राष्ट्रमताचो संपादक जहाल कोंकणी वा उखलापी मराठीवादी आसचो ना अशीं धोरणां थरयिल्लीं. हेच खातीर दोनांय गटां कडेन स्नेहाचे संबंद आसपी श्री. वसंत वैकुंठ कारे हांणी राष्ट्रमताचें संपादकपद घेतिल्लें. पूण सदां येवपी दडपण आनी मराठीवाद्यां कडल्यान जावपी टिका सोंसू नज जावन तांणी स म्हयन्यां भितरूच हें पद सोडलें आनी वर्सभरांत राष्ट्रमतूय सोडलें. तेन्ना राष्ट्रमताक मराठीवादी ‘भ्रष्टमत’ अशें म्हणटाले. बाजारांत भोंवतना, हेर कडेन भोंवतना श्री. वसंत वैकुंठ कारेंक मराठीवादी ‘भ्रष्टमत-भ्रष्टमत’ अशें म्हणीत तिडायताले. साद्या स्वभावाच्या कारेंक ही टिका सोंसलिना, देखून संपादकपद सोडलें आनी अशे रितीन रितें संपादकपद चंद्रकांत केणींनी स्विकारलें.[15]

चंद्रकांत केणी राष्ट्रमताचे संपादक आसले तेन्ना राष्ट्रमताच्या वतीन केल्लो वावर, तातूंत मुखेल म्हणल्यार -

1. भाशीक वाद सुरू जालो.
2. ओपिनियन पोल घडोवन हाडलो.
3. कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी.
4. कोंकणी गोंयची राजभास जाली.
5. गोंय हें घटक - राज्य जालें.

1963 वर्सा राष्ट्रमत सुरू जालें आनी ओपिनियन पोल जालो. ह्या वर्सा मदीं गोंयांत निश्चीतपणान राष्ट्रमत मगोविरोधी वातावरण तयार जालें. तेन्ना गोंयांत कांय जाणांक मराठी भास जाय आसली पूण गोंय महाराष्ट्रांत वचपाक नाका आसलें अशे तरेचें वातावरण तयार जालें. ही सगळी फाटभूंय लक्षांत घेवन चंद्रकांत केणी राष्ट्रमता विशीं जो मुद्दो मांडटात तो विचार करपा सारको. ते म्हणटात, "फक्त राष्ट्रमताक लागुनून आमी ओपिनियन पोल जिखले अशें हांव म्हणचों ना. पूण राष्ट्रमतान ओपिनियन पोलाक पोशक अशें वातावरण निश्चीत तयार केल्लें."[16]

राष्ट्रमत म्हणल्यार, 'स्वाभिमानी गोमंतकाचे विजयी राष्ट्रीय मुखपत्र.'[17] चंद्रकांत केणींचे संपादकेखाला राष्ट्रमताची आयतारची पुरवणी येताली. राष्ट्रमतान साहित्याक पोशक अशें वातावरण निर्माण केलें. प्रवासवर्णनां, कथा, ललीत लेख, कविता सारक्या साहित्यीक प्रकारांक वाव मेळ्ळो. प्रवासवर्णनां, ललीत लेख बरोवपी सुमेधा कामत देसाय सारके लेखक राष्ट्रमतान तयार केले. पत्रकार चंद्रकांत केणीं हांणी आपणाक कशे तरेन साहित्यीक म्हूण घडयलां हे विशीं सांगता आसतना सुमेधा कामत देसाय म्हणटा, "केणयान म्हाका घडयलें. तर्कशुद्ध विचार करूंक शिकयलें. प्रत्येक गजालीची चिकित्सा, विश्लेशण करूंक शिकयलें. मनशां पारखूंक शिकयलें. जें दिश्टी पडना तें पळोवंक शिकयलें. तांच्या स-सात वर्सांच्या सहवासांत आमी तें शिकपाचो प्रयत्न केलो. वडाचो एखादो विशाळ रूख आसचो, ताचीं पाळां-मुळां धर्तरे वटेन लोंबकळत आसचीं, ताच्या खांदया-खांदयांनी सुकणीं बसचीं आनी सावळेंत मनशां-गोरवांनी विसव घेवचो, तशे आसले राष्ट्रमतांतले ते दीस आनी केणीबाब नांवाचो व्हड वडारूख."[18]

चंद्रकांत केणींनी कोंकणी भाशे खातीर आनी साहित्या खातीर खूब वावर केलो. तातूंत 'सोमार' नांवाची पुरवणी ते कोंकणींतल्यान उजवाडाक हाडटाले. ते भायर थोड्याच काळा खातीर राष्ट्रमताचो आयतारचो अंक कोंकणींतल्यान छाप्पाचो प्रयोग तांणी केलो. तशेंच 'राष्ट्रमत साहित्य स्पर्धा' आयोजीत करून नवोदीत बरोवप्यांक प्रोत्साहन दिताले. ते वाचप्याचे नदरेन भरपा सारके सुंदर शैलीन 'मनोगत' हें ललीत लेखाचें सदरूय बरयताले. हे विशीं अ. ना. म्हांबरे म्हणटात, "आयतारच्या 'राष्ट्रमतां'त चंद्रकांत 'मनोगत' म्हूण सदर बरयताले तें खूब लोकप्रीय जाल्लें."[19]

राष्ट्रमतांत चंद्रकांत केणी 'मनोगत' ह्या सदरांत ललीत लेखन करताले. ह्या ललीत लेखनाच्या आदाराचेर 'प्रतिबिंब' हें पुस्तक लेगीत तयार जालां. हातूंत विंगड विंगड विशय आसपावतात तर कांय लेख प्रवासवर्णनात्मक आसात जाल्यार कांय अस्तुरी मुक्ती, धर्म हेर विशयांचेर आसात. 'वृक्षपुराण', 'वृक्षवल्ली आम्हां सोयरी', 'गुलमोहराचे झाड' आनी हेर सैमीक वर्णनात्मक लेख तातूंत वाचपाक मेळटात.[20] सरभोंवतणी घडपी घडणुको आनी मेळिल्ल्या व्यक्तींचे अणभव प्रतिबिंबीत जावप हें ह्या मनोगत सदराचें स्वरूप.[21]

चंद्रकांत केणी हे राष्ट्रमताचे संपादक आसले आनी राष्ट्रमताच्या पयल्या पाना वयल्या पयल्या अक्षरा सावन निमण्या पाना वयल्या निमण्या अक्षरा मेरेन जें कितें छापून येतालें तें सगलें विलिनीकरणवाद्यांच्यो तिसत्यो करपाचें बरप आसतालें. चंद्रकांत केणी जरी कोंकणी मोगी आसले तरी तांणी मराठीचो दुस्वास केन्नाच केलो ना.

चंद्रकांत केणींच्या संपादनाखाला 'कुळागर' हें म्हयनाळें मडगांव सावन भायर सरलें. ह्या म्हयनाळ्यांत फकत गद्य साहित्याक प्रोत्साहन दिताले आनी तातूंत पयलीं गद्य साहित्य उजवाडाक येतालें. ह्या कुळागराच्या पयल्या अंकांत संपादक कुळागराचो जल्म कसो जालो ताची भुमिका आनी उद्देश कितें हाजें स्पश्टीकरण सांगतात. कुळागराच्या पयल्या अंकांत संपादकान बरयिल्लीं हीं उतरां, "गोंय आनी गोंयकारांची सेवा करतना फाटलीं पंदरा वर्सां 'राष्ट्रमता'न आपले तांकी प्रमाणें कोंकणी भाशेची सेवा केल्या. कोंकणीच्या आंदोलन पर्वांत 'राष्ट्रमत' सदांच मुखार रावलां आनी तशें करता आसतना कोंकणी प्रतिभेक उजवाडांत हाडपाचो वावरूय त्या दिसाळ्यान केला. पूण आतां कोंकणीचें आंदोलन पर्व सोंपून

विधायक पर्व सुरू जालां, अशा वेळार कोंकणी भास आनी समाज हांची सेवा करपा खातीर एका स्वतंत्र नेमाळ्याची गरज उप्रासल्या. तशें पळोवंक गेल्यार गरज आसली ती एका कोंकणी दिसाळ्याची ना जाल्यार सप्तकी नेमाळ्याची. पूण दुदाची तान तुर्ताक तरी ताकार भागोवची पडटा."[22]

हातूंतलें कांय साहित्य आनी लेख म्हणल्यार, मनोहर सरदेसायांल्यो - 'खबरो' (मार्च, 1985), 'अपुरबायेचें अप्रूप,' - नागेश करमली, 'कोंकणीच्या तीन बोलींची खबर' - डॉ. उर्मी देसाय हांची मुलाखत (एप्रील, 1979), 'पुंडलीक नायकालें कथा साहित्य' - बा. द. सातोस्कार (फेब्रुवारी, 1982), तातूंत 'गजाल' हें सदर अ. ना. म्हांबरे बरयताले आनी 'तरंगां' हें सदर प्रा. प्रकाश थळी बरयताले. तातूंतलें कांय कथा साहित्य म्हणल्यार, 'ला इलाह इल्लिलाह' - मेधा कुंदे (मार्च, 1984), 'नागवलो' - मीना काकोडकार, 'घर' - आश्विनी, 'चाकरी' - सुधाकर दळवी, 'स्ट्रेझ' - रमेश कामत, 'श्रोवता' - विजया कुरतरकार आनी हेर साहित्य प्रकाशीत जातालें.

चंद्रकांत केणींनी कुळागर प्रकाशन सुरू करून तातूंतल्यान कोंकणी पुस्तकां उजवाडावपाचो उपक्रम सुरू केलो. पूण वांगडाच 'कुळागर पुरस्कार' दिवपाचो उपक्रम लेगीत तांणीच सुरू केलो. हाजे विशीं सांगता आसतना उदय भेंबरे म्हणटात, *"He started 'Kullagar Prakashan' an institution for publication of books and instituted 'Kullagar Award' for meritorious work in the field of development of Konkani".*[23]

राष्ट्रमताचे संपादक आसतना चंद्रकांत केणींक सदांच दिसतालें की फुडाराचे नदरेन गोंयांत कोंकणी वाचक वर्ग तयार जावपाक जाय. आनी तो वाचक वर्ग तयार जावपा खातीर कोंकणी दिसाळें आसपाक जाय. देखून 'सुनापरान्त' हें देवनागरींतलें कोंकणी भाशेंतलें पयलें वयलें दिसाळें सुरू जालें. 1987 वर्सा दत्तराज साळगांवकार हांणी गोवा पब्लिकेशन प्रा. लि. ही प्रकाशन संस्था स्थापन करून तातूंतल्यान 'सुनापरान्त' नांवाचें कोंकणी देवनागरी दिसाळें सुरू केलें.[24]

1987 वर्सा 'सुनापरान्त' सुरू जालो तेन्ना 'राष्ट्रमत' आनी 'सुनापरान्त' हांचे संपादक चंद्रकांत केणी आसले. ह्या वेळार कांय जाणांनी राष्ट्रमत कोंकणींत करपाची बुद्द

चंद्रकांत केणींक दिल्ली. पूण तांणी ती मान्य करून घेतली ना. ‘राष्ट्रमत’ मराठी खबरांपत्र म्हूण सुरू जालें आनी निमणे मेरेन तें मराठी भाशेंत उरपाक जाय अशी चंद्रकांत केणींनी त्या वेळार भुमिका घेतली. 1990च्या सुमाराक दत्तराज साळगांवकारान चंद्रकांत केणींक राष्ट्रमत कोंकणींत करुया अशी ऑफर लेगीत दिली, पूण चंद्रकांत केणींनी ती मान्य केलिना. आनी कांय तेपा खातीर तांणी आपलें सगळें लक्ष सुनापरान्ताचेर केंद्रीत केलें. हे विशीं गुरुदास सावळ सांगतात, “सुनापरान्त हें कोंकणी दिसाळें चालू करपाचें थारलें तेन्ना संपादक म्हूण केणीबाबांचें नांव मुखार आयलें. तेन्ना ते राष्ट्रमताचे संपादक आसले. एकाच वेळार दोन दिसाळ्यांचें संपादन करपी चंद्रकांत केणी हे घडये संवसारांतले पयले संपादक आसतले. राष्ट्रमत चालू आसतनाय सुनापरान्ताची घडी बसोवपाचें काम केणीबाबांनी बेस बरे पद्दतीन केलें.”[25]

चंद्रकांत केणी सुनापरान्त ह्या दिसाळ्याची सुरवात कशी आनी कित्या खातीर जाली हाजे फाटले फाटभुंये विशीं सांगतात, “1986 वर्सा मेरेन कोंकणी खबरांपत्र नासलें. गोंयांत कोंकणी वाचक वर्ग तयार करपाक कोंकणी खबरांपत्राची गरज खूब थारताली. कोंकणींतल्यान खबरांपत्र काडटले जाल्यार आर्थीक मदत जाय आसली. देखून चंद्रकांत केणींनी उद्देजकां कडेन संपर्क केलो. जेन्ना उद्देगपती दत्तराज साळगांवकारां कडेन अर्थीक मदती विशीं उलयले तेन्ना ते दिवपाक तयार जाले पूण तांणी चंद्रकांत केणींक, जर तुमी ह्या कोंकणी दिसाळ्याचीं सगळीं सुत्रां तुमच्या हातांत घेतात आनी ताचें संपादन फकत तुमीच करतात जाल्यार हांव अर्थीक मदत करपाक तयार आसां, ना जाल्यार हांव अर्थीक मदतीचो प्रस्ताव पाटीं घेतां. अशें आसतना चंद्रकांत केणी कोंकणी दिसाळें काडपाक फाटीं फुडें जाताले. देखून हे विशीं उलोवपा खातीर ‘मांडवी’ हॉटेलांत एक बसका घेतली, तातूंतल्या खूब जाणांनी अशें मत दिलें की जर सुनापरान्ताची चावी चंद्रकांत केणींच्या हातांत आसली जाल्यार तातूंत कांय बादा जावपाक ना. हे बसकेक हाजीर आशिल्ल्या सगळ्या कोंकणी भावांनी सगळे वटेंतल्यान पालव दिवपाचें उतर दिलें.”[26]

सुनापरान्त ह्या कोंकणी दिसाळ्याचें नांव ‘सुनापरान्त’ कशें पडलें हे विशीं चंद्रकांत केणी सांगतात, “सुनापरान्ताक ‘सुनापरान्त’ हें नांव एके विचित्र स्थितींत पडलें. आमी कोंकणी दिसाळ्याचें नांव ‘अपरान्त’ अशें थारायिल्लें. पूण इंडियन रजिस्टर ऑफ

निवजपेपर (Indian Register of Newpapers) ह्या भारत सरकाराच्या खात्यान खंयचेंय खबरांपत्र उजवाडाक हाडचे पयलीं नोंदणी करची पडटा. 'अपरान्त' ह्या नांवाचे नोंदणे खातीर अर्ज केल्लो. मे म्हयन्याच्या दुसऱ्या सप्तकांत म्हणल्यार 13 मे 1987 दिसा कोंकणी दिसाळें भायर काडपाचो बेत थारायलो. इतल्यान दिल्ली सावन चंद्रकांत केणींक इंडियन रेजिस्टर ऑफ निवजपेपर ह्या खात्यांतल्यान फोन आयलो. फोनाचेर कळीत केलें की, 'अपरान्त' ह्या नांवाचो आनीक एक पेपर भारतांत सध्यां चलता. तेन्ना तुमी तुमच्या खबरांपत्राक नवें नांव दियात. चंद्रकांत केणींनी फोनाचेरूच 'सुनापरान्त' हें नांव सुचयलें. आनी अशे रितीन कोंकणीच्या पयल्या वयल्या दिसाळ्याक सुनापरान्त हें नांव पडलें. तरी आसतना सुनापरान्त हें नांव सर्वसामान्य लोकांच्या तोंडार सहज घोळटलें काय ना असो दुबाव चंद्रकांत केणींच्या मनांत पयलीं येवपाक लागलो अशें ते सांगतात."[27]

कोंकणी दिसाळें सुरू करप म्हणल्यार त्या वेळार एक व्हड आव्हानूच म्हणपाक जाता. दिसाळें म्हळ्यार खबरो सगळ्या मळांवयल्यो आसताल्यो, तातूंत राजकी, सामाजीक, विज्ञानीक, संस्कृतीक, खेळ बी उतरावळ जाय आसली. पूण त्या वेळार कोंकणी दिसाळें सुरू करपा खातीर कोंकणींत प्रमाणीत उतरावळ नासली, शुद्धलेखनाचे नेम नासले, तशेंच परिभाशीक उतरावळूय नासली. आनी अशे परिस्थितींत कोंकणींतल्यान देवनागरींत दिसाळें सुरू करप म्हणल्यार एक आव्हान कशें आसलें.

अशे परिस्थितींत 1987 वर्सा सुनापरान्त सुरू जालो. राष्ट्रमत आनी सुनापरान्त ह्या दोनांचेय संपादक पयलीं चंद्रकांत केणी आसले. उपरांत तांणी आपलें लक्ष सुनापरान्ताचेर केंद्रीत केलें. तेन्ना सुनापरान्तान आपलें धेयवाक्य 'तुमचें वर्तमानपत्र तुमचेच भाशेंत' अशें थारायलें.

1990 वर्सा मेरेन चंद्रकांत केणी सुनापरान्ताचे संपादक म्हूणन काम करताले. तातूंत शैलिदार संपादकीय बरयताले, तशेंच तांच्यो कथा, निबंद, नवलिका, प्रवासवर्णनां ह्या सारकें साहित्य कोंकणी दिसाळ्यांत येतालें. तातूंत ते 'ल्हारार-ल्हार' नांवाचें वेगळें अस्तित्व आशिल्लें सदर आसतालें. तातूंत विंगड विंगड विशय आसताले.

1987 ते 1990 ह्या वर्सां मेरेन चंद्रकांत केणी सुनापरान्ताचे संपादक म्हूण उरले. 1990 वर्सा तांणी सुनापरान्त सोडून परतून आपलें लक्ष राष्ट्रमताचेर केंद्रीत केलें. ह्याच

वेळार तांणी राष्ट्रमताचो आयतारचो अंक कोंकणींतल्यान काडपाचो प्रयोग केलो. ह्या वेळार सुनापरान्ताक शह दिवपा खातीर राष्ट्रमतान हो प्रयोग सुरू केला असो कांय जाणांनी तांचेर आरोप केलो. पूण आयतारचो राष्ट्रमत कोंकणीत केले उपरांत राष्ट्रमताचो खप उणो जाल्लो. हे विशीं चंद्रकांत केणी अशें मत मांडटात, “सुनापरान्ताक शह दिवपाचो प्रस्नूच नाशिल्लो. म्हाका कोंकणीचें क्षेत्र विस्तारपाचें आशिल्लें. स दीस मराठी वाचपी वाचकांक सातव्या दिसा कोंकणी अंक दिलो जाल्यार कितें जाता हेंय पळोवपाचें आसले. सुरवातीक वाचक गडबडले पूण उपरांत सगलें सुरळीत जालें.”[28]

1 सप्टेंबर 2004 ह्या दिसा राष्ट्रमत बंद पडलें. पूण निमण्या तीन वर्सांक दोन पानी राष्ट्रमत चार पानांचें केलें. पूण 2000 वर्सा मेरेन राष्ट्रमताची परिस्थिती भायर जाल्ली. हें खबरांपत्र आतां बंद करूंक जाय असो वेवस्थापकांचो निर्णय जावपाक लागलो. कर्मचाऱ्यांचें देणें दिवपाक चंद्रकांत केणी आपूण व्यापांतल्यान मेकळे जाले. 1 सप्टेंबर 2004 ह्या दिसा राष्ट्रमत सासणाचें बंद करपाचें थारलें. ज्युस्त त्याच दोन दिसां आदीं म्हणल्यार 29 ऑगस्टाक अनिल साळगांवकारान राष्ट्रमताचीं सगळीं सुत्रां आपल्या हातांत घेवन राष्ट्रमताच्या कार्यालयाक कुलूप लायलें. राष्ट्रमत बंद पडपाक जायतीं कारणां आसलीं खरीं पूण तो चलतालो फकत चंद्रकांत केणींक लागून. हाजे विशीं कांय जाणांचीं मतां मेळटात तीं अशीः श्री. सिताराम टेंगसे म्हणटात, “राष्ट्रमतूय बंद पडपाक अशींच कांय कारणां आसात ... चंद्रकांत केणी नाशिल्ले जाल्यार राष्ट्रमत केन्ना बंद पडटलें आसलें.”[29]

तर डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार आपलें मत मांडटना सांगतात. “राष्ट्रमत चल्लें तें फकत चंद्रकांत केणींक लागून. आनी तें रडत मरत चल्लें तेंय तांकांच लागून. आयज राष्ट्रमत बंद पडलें तेन्ना सगले मान्य करतात की केणीबाबांच्या हातांत तें उरिल्लें जाल्यार केन्नाच बंद पडपाचें नासलें.”[30]

राष्ट्रमताचे संपादक म्हूण काम करता आसतना तांणी कितलेशेच लेख, अग्रलेख, ललीत निबंद, प्रवासवर्णनां आनी कथा उजवाडाक हाडल्यात. तातूंत चड गोंय, कोंकणी भास, विलिनीकरण, गोंयचो फुडार ह्या विशयांचेर लेखन आसपावतालें. 1963 ते 2003 वर्सा मेरेन दिसाळ्याचे संपादक म्हूण काम केलां. तातूंत वेवसायीक नदरेन 1995 वर्सा तांकां राष्ट्रीय श्रेश्ठ पत्रकारितेचो पुरस्कार (National Award for Journalism) मेळ्ळो.

तशेंच ते गोंय संपादक गायड (Goa Editors Guide) हांचे अध्यक्ष आसले. दत्ता नायक तांचे पत्रकारिते विशीं म्हणटात, *“Chandrakant Keni was a living school of journalism.”*[31]

राष्ट्रमताचे संपादक म्हूण घेतिल्ल्या अणभवां विशीं चंद्रकांत केणी सांगातात, “वैयक्तीक दृश्टीन विचार करीत जाल्यार राष्ट्रमताक समर्पीत केल्लें म्हज्या जिविताचें पाव शतक म्हजे पुरतेंच तरी म्हाका कृतार्थ दिवपी थारता. ह्या काळांत आंगार घेतिल्या ध्येय धोरणाचेर चलतां चलतां जायत्या जाणांचो साथ तुटलो, जायते फावटीं एकलेपणाचो अणभव घेतलो. कितलेशेच सहकारी विवीध क्षेत्रांत वावूरपाक गेले. असंख्य इश्ट जोडले आनी तांचे परस अदीक दुस्मान, पूण ते खातीर खंत दिसना.”[32]

गोंय सारस्वत समाजाचें त्रैमासीक प्रकाशन म्हूण ‘सारस्वत’ हें मडगांव सावन 1999 वर्सा प्रसिद्ध जालें. चंद्रकांत केणी ह्या त्रैमासिकाचे संपादक आसले. पूण संपादक मंडळांत प्रभाकर आंगले, दामोदर न. नायक आनी चंद्रकांत केणी आसले. ह्या त्रैमासीक प्रकाशनाचे कांय अंक पणजेंतल्या श्रीसरस्वती मंदिरांत उपलब्ध आसात. ह्या त्रैमासिकांत कोंकणी, मराठी आनी इंग्लेज अशे तीन भाशीक लेख आसपावतात. तशेंच ते न्याय दिवपी आसात. पूण तांचे वांगडाच तांचीं नितीमुल्ल्यांय व्हड दर्जाचीं आसात.[33]

चंद्रकांत केणींनी देवनागरी लिपींत कोंकणी, हिंदी आनी मराठींतल्यान जो पत्रकारितेचो वावर केला तो वैशिश्ठ्यपूर्ण आसा. कोंकणी, जाग. बिंब, कुळागर, बी म्हयनाळ्यांनी तांचें साहित्य उजवाडाक येतालें. तेच बाराबर चंद्रकांत केणींनी इंग्लीश भाशेंतले पत्रकारितेचो वावर निर्मितीमुलक पद्दतीन केलो. तातूंत जितले उत्कृश्टपणान ते देवनागरींत बरयतात तितल्याच उत्कृश्टपणान इंग्लीश भाशेंत लेगीत बरयताले. ‘गोवा टुडे’ ह्या म्हयनाळ्यांत तशेंच ‘दी नवहिंद टायम्स’ ह्या दिसाळ्यांत आयतारच्या अंकाच्या सदरांत आपले वैचारीक लेख बरयताले. ह्या तांच्या पत्रकारितेच्या वावराचो नियाळ घेतना मोहनदास सो. सुर्लकार तांकां हाडाचो पत्रकार म्हणटा आसतना सांगतात. “ते हाडाचे पत्रकार आशिल्ल्या कारणान पत्रकारिता ह्या क्षेत्रांत तांणी भरीव अशे काम केलें आनी ह्या क्षेत्रांतय तांची छाप कायम उरली.”[34]

“चंद्रकांत केणींचो देवनागरीतूंच न्हय तर इंग्लेज भाशेंतल्यान बरोवपाक हात धरपाक कोण ना. तांचें ड्राफ्टींग दोळ्यांनी भरपा सारकें आसा,”[35] अशें डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार सांगतात.

चंद्रकांत केणी हांकां गोंय, गोंयकार आनी कोंकणी भाशे खातीर खूब आपुलकी आसा. देखून जेन्ना आपूण इंग्लेजींतल्यान बरोवपाक सुरवात केली तेन्ना बरोवप कोंकणी भशेन आसा अशें दिसपाक लागता. हाचेर चंद्रकांत केणी म्हणटात, *“Ideas are more powerful than army of word’s”* आपूण जें मूळ तथ्य इंग्लेज भाशेंतल्यान अभिव्यक्त करतां तें इंग्लेज भाशेंतल्या लोकां मेरेन अभिव्यक्त जाता. हो इतलो भोवमान पुरो. आनी तें वाचले उपरांत रोखडेच फोन आनी पत्रां येतात देखून एक वेगळे तरेचें समाधान मेळटा.[36]

चंद्रकांत केणी जेन्ना इंग्लिशेंतल्यान बरोवपाक लागले तेन्ना ‘दी नवहिंद टायम्स’ ह्या दिसाळ्यान तांकां एक ऑफर दिली. आमच्या पेपरांत आयतारच्या अंकांत एक कोलम दितां, तुमी आमच्या पेपराक सद्दां बरयात. तांणी ही ऑफर स्विकारली आनी ‘Goa and Goans’ आनी ‘What Goa needs ह्या वैचारीक भोवरंगी विशयाचेर आपले विचार व्यक्त करपाक लागले. ‘दी नवहिंद टायम्स’ ह्या दिसाळ्या वयलीं चंद्रकांत केणींचीं ‘Goa and Goans’ आनी ‘What Goa needs’ हीं सदरां खूब वर्सां मेरेन चल्लीं. हातूंत तांणी राजकी, सामाजीक, संस्कृतीक, इतिहासीक, धर्मीक तशेंच प्रदेशीक, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय सारके विशय हाताळ्ळयात. तातूंतल्या कांय वेंचीक लेखांचीं नांवां म्हणल्यारः *History and mythology* [june, 8, 2008], *Education policy* [may 28, 2008], *Signals from over seas* [February 10, 2008], *Script divide language* [Spetember 18, 2005 ], *Knotly problem* [December 9, 2007], बी आसात.

चंद्रकांत केणींचें वर्तमानपत्री बरप आतां पुस्तक रुपान येवपाक लागलां. तातूंतलें एक म्हणल्यार साहील प्रकाशनाचें ‘गोंय आनी गोंयकार’. ‘गोंय आनी गोंयकार’’ नांवा वयल्यान फाटलीं 40 वर्सां एक सदर मराठी कोंकणींतल्या नेमाळ्यांनी ते बरयताले. हातुंतले वेंचीक लेख घेवन ‘गोंय आनी गोंयकार’ संग्रह तयार जालो.

'गोंय आनी गोंयकार' ह्या पुस्तकांत प्रकाशनाचें निवेदन म्हूण श्री. सुनील श्रीधर प्रभू देसाय हाणें बरयल्यांत तीं उतरां नदरेंत भरतात. "श्री चंद्रकांत केणी हे एक ज्येश्ठ आनी यशस्वी पत्रकार. लोकांच्या हावेसांचो आनी निरशेवण्यांसो थाव घेवपी कथा तांणी बरयल्यात. गोंयच्या इतिहासांत बुचकळयो मारून खूब मोलादीक रत्नां तांणी भायर काडल्यांत. वर्तमानांत आमी खंय चुकतात हें सोंपे भाशेंत, गोड उतरांनी तांणी सांगलां. भविश्याचो वेध घेवपी ताची नदर अणभवांत समृद्ध. फाटल्या चाळीस वर्सांच्या काळांत तांणी सुमार 1500 कथा, 750 निबंध, 5-6 कांदबरिका, साबार ललित निबंध, प्रवासवर्णनां बरयल्यांत. सुमार 35 पुस्तकां उजवाडाक आयिल्लीं आसलीं तरी तांचें चडशें वर्तमानपत्री बरप फायलींनी पडून आसा. कोंकणी साहित्याचें हें दायज कोणें तरी सांबाळूंक जाय."[37]

उपरांत 'गोवा आनी गोवन्स' नांवाचें एक सदरूय ते साबार वर्सां बरयताले. ह्या इंग्लेज सदराचे वेंचीक लेख संग्रहीत जावन 'गोवा एण्ड गोवन्स' ह्या नांवान पुस्तक रुपांत येतात.

चंद्रकांत केणी सदांच वेवसायीक नदरेंतल्यान एक संपादक आनी पत्रकार म्हूण वावूरल्यात. ते त्रिवेणी, राष्ट्रमत सुनापरान्त, कुळागर, ऋतु, सारस्वत हांचे संपादक आसले. तशेंच कितल्याशाच पत्रकांनी ते सातत्यान बरयताले. संपादक म्हूण वावर करतना तांणी कितल्याशाच आव्हानांक तोंड दिवपाचें एक व्हड कार्य केल्लें आसा.

तशेंच पत्रकारितेंत संपादकाचें कार्य खूब म्हत्वपूर्ण आसता. संपादकाचें कार्य म्हत्वाचें कित्याक ते विशीं स्पश्टीकरण दिता आसतना श्री. बा. द. सातोस्कार म्हणटात, "संपादक हो वृत्तपत्राचो जीव आसता. वृत्तपत्राचे यंत्रणेंत सर्वज्ञ वा सर्वशक्तिमान, सगळ्यांक समजुपी एक व्यक्ती म्हूण वळखुपाक जाता, अशें म्हणपाक चड सोबता. संपादकाचे खुर्चेर बसून ही व्यक्ती आपल्या पत्राचें सुत्रसंचालन करता, दिसाळ्याचें धोरण थारायता, आनी हें धोरण तांच्या सहकाऱ्यां कडल्यान चालीक हाडपाचो प्रयत्न करता, तशेंच प्रयोगीक यश जोडचें म्हूण प्रयत्नांची पराकाश्टा करता."[38]

ह्या कार्याची सर चंद्रकांत केणींच्या कार्या कडेन करतना अशें दिसून येता, "राष्ट्रमत चल्लो तो फक्त चंद्रकांत केण्यांत लागुनूच आनी तो रडत मरत चल्लो तोय बी तांकां

लागून. आयज राष्ट्रमत बंद पडला तेन्नाय सगलेच मान्य करतात की केणीबाबांच्या हातांत तो उरिल्लो जाल्यार मात तो केन्नाच बंद पडचो नासलो."[39] अशें मत डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार दितात. तशेंच तांणी राष्ट्रमत आनी सुनापरान्ताचे खुर्चेर बसून नवे नवे प्रयोग केले. राष्ट्रमताचो आयतारचो अंक कोंकणींत काडपाचो तांणी प्रयोग केलो. तशेंच तीन भासांतल्यान पत्रकारितेची सुरवात तांणी केली (त्रिवेणी).

संपादक म्हणटकच संपादकीय लेख बरोवचे पडटात. चंद्रकांत केणींनी अशे कितलेशेच अग्रलेख बरयले. संपादकीय लेख कितले म्हत्वाचे हें चंद्रकांत केणींनी बरयिल्ल्या संपादकीय लेखां वयल्यान कळटा.

लोकमान्य टिळकांनी केसरी संबंदान एकदां अशें म्हणिल्लें, "... लोकां मदीं जागृताय, खळबळ आनी संघशक्ती उत्पन्न करप हें वर्तमानपत्रकार हे नदरेन आमचें मुखेल कर्तव्य अशें हांव समजतां, आमकां आमच्या मनांतले विचार, आमच्या मनांतली तळमळ वा जळफळ वाचप्यांच्या मनांत उरपा खातीर आसा, पूण आमच्या लेखनाचो जर वाचप्यांच्या मनाचेर परिणाम जायना जाल्यार आमचे श्रम फुकट गेले अशें आमी समजतात..."[40] हो टिळकांचो विचार 'केसरी' ह्या वर्तमानपत्रा संबंदान आसलो. केसरी वर्तमानपत्रान भारतांत स्वतंत्र्याची जी भुमिका घेतली तीच भुमिका राष्ट्रमतान गोंय आनी कोंकणी संबंदांन घेतली अशें म्हणपाक जाता.

पत्रकारिता हो एक असो वेवसाय आसा, जो उत्तम रितीन केलो जाल्यार आनी ताका योग्य न्याय दिलो जाल्यार वेगळी समाजसेवा करपाची गरज लागना. पत्रकारिता ही सगळ्यांत बरी समाजसेवा थारता. ताका लागून वृत्त-वेवसायूच उत्तम तरेन केलो वा संपादकान संपादकीय लेखन आपल्या वृत्तपत्रांत बरे तरेन केलें जाल्यार समाजसेवा जाता, जी वेगळे तरेन करपाची गरज लागना.

अ. ना. म्हांबरो चंद्रकांत केणींच्या पत्रकारितेंतल्या सगळ्यांत व्हड कार्या विशीं उलयतना सांगता, "पत्रकारितेंत तागेल्या वावराचो उच्च बिंदू म्हणल्यार ताणें दिल्लीक वचून घेतिल्ली पंडित नेहरूंची मुलाखत."[41]

चंद्रकांत केणी एक स्वयंभू पत्रकार आसले. तांचे पत्रकारितेच्या वावरा विशीं आपलें मत मांडटा आसतना महाबळेश्वर सैल म्हणटात, “ते एक स्वयंभू पत्रकार आसले. पत्रकारितेच्या सगळ्या आंगांनी ते पारंगत आसले. कंपोजिशन, प्रूफ रिडींग, सदरां बरोवप, संपादकीय लेख बरोवप, दिसाळ्याची वितरण वेवस्था पळोवप, नवे पत्रकार घडोवप हीं सगळीं कामां तांणी केलीं.”[42]

एक पत्रकार ह्या नात्यान आपले भुमिके विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “As a journalist my role is that of Cameraman. A journalist has to be neutral and unattached. He can have no sentiment, although he has the freedom to project a thing from his own angle.”[43] अर्थांत पत्रकार हो छायाचित्रकारा सारको आसता अशें ते मानतात.

चंद्रकांत केणी आतांचे पत्रकारिते विशीं आपले विचार व्यक्त करता आसतना सांगतात, “आतां कृष्णाक सोडून नरकासुराची पुजा जावंक लागल्या. पत्रकाराचें काम म्हणल्यार प्रवाहपतीत जाल्ल्यांक वयर काडप. पत्रकाराचेर सामान्य जनतेचो विश्वास आसूंक जाय. पत्रकारितेंत जें विधायक आसा तेंच आपणावंक जाय. सगल्यो गजाली येतात आनी वतात. पूण मुल्ल्यां मात तशींच उरतात. तीं सांबाळपाचो येत्न जावपाक जाय.”[44]

पत्रकार कसो आसचो हे विशीं रवीन्द्र केळेकार आपले विचार उकतायतना सांगतात, “पत्रकार विचारवंतूच आसूंक जाय ह्या संस्कारांत म्हजी वाड जाल्या. पत्रकारा कडेन तागेली अशी एक खाशेली ‘नदर’ आसूंक जाय. ताचे कडेन एक विचारसरणी - एक ‘ideology’ आसूंक जाय. लोकांक ती पटोवपाचो ताणें यत्न करीत रावंक जाय. न्हिदिल्ल्यांक ताणें जागोवंक जाय. जागे जाल्ले भितरले घुसमटूंक लागतात तेन्ना तांगेल्या घुसमटमाराक ताणें वाचा फोडूंक जाय. तांचें नेतृत्व करूंक जाय. तांकां वाट दाखोवंक जाय. तांकां विचार करूंक लावंक जाय. विचार कशे करचे तें शिकोवंक जाय. तांकां संस्कारी करूंक जाय. पत्रकार हो लोकसेवक आसूंक जाय, लोकशिक्षक आसूंक जाय, लोकनायक आसूंक जाय, असल्या मतांचो मनीस हांव.”[45] ह्या रवीन्द्र केळेकारांच्या उतरांचो

विचार केलो जाल्यार, चंद्रकांत केणीं पत्रकार म्हूण अशे आसले. देखून अरूण सिन्हा, "*the man will never go*" अशें म्हणटात.[46] जाका लागून "गोमंतकीय पत्रकारितेचो एक मानदंड म्हणून श्री. केणी हांचे कडेन पळयतात."[47]

तुकाराम शेट चंद्रकांत केणींचे पत्रकारितेचो नियाळ करून अशें म्हणटात, "केणीबाब कोंकणी साहित्य समृद्ध करपी कोंकणी चळवळीचे स्वयंसिद्ध फुडारी. तांणी नवे कार्यकर्ते आनी लेखक घडयले. राष्ट्रमत, कुळागर आनी सोमाराच्या माध्यमांतल्यान कोंकणी चळवळीची व्याप्ती वाडयली. गोंयकारांचो एक दूरदृश्टी आशिल्लो कुशळ फुडारी गेलो."[48]

कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी चंद्रकांत केणी विशींचे पत्रकारिते संबंदान उलयतना तांचो भोवमान करता आसतना कोण कसो करता हे विशीं अशें सांगतात, "पत्रकार आनी कोशकार दामोदर घाणेकार भौ. चंद्रकांतबाबांक 'चंद्रकांतबाब - एक चाणाक्ष पत्रकार'' म्हणटात जाल्यार ज्येश्ठ पत्रकार सुरेश वाळवे तांकां 'द्रष्टा राजस सुकुमार मदनाचा पुतळा' म्हूण पाचारतात."[49]

## निश्कर्शः

निश्कर्श स्वरुपांत सांगचें जाल्यार चंद्रकांत केणी एका साहित्यिका वांगडाच एक पत्रकार आसले. कोंकणी वा कोंकणी संबंदीचे पत्रकारितेक तांणी व्हड योगदान दिलें. ते कोंकणी चळवळीचो एक वांटो आसले. गोंयच्या अस्तित्वाची लढाय जिखपा खातीर आनी कोंकणी भाशेची राखण करपा खातीर 'राष्ट्रमत' दिसाळ्याची मुळावण घाली. ही मुळावण घालपाक तांणी गोंयां भायले पत्रकार गोंयांत हाडले. राष्ट्रमताचे संपादक ह्या नात्यान हें एक कठीण परिस्थितीचें आव्हान आसलें. सत्तेर विलिनीकरण सरकार, जाचे फाटल्यान महाराष्ट्र राज्याचें पुराय फाटबळ, हिंदू भौजन समाज घुसपल्लो. दिसाळें मराठी पूण पुरस्कार कोंकणीचो करतालें. राष्ट्रमताची मुळावण घालपाक जरी चंद्रकांत केणींनी गोंया भायल्यान पत्रकार हाडले तरी लेगीत तांणी त्या काळार गोंयांत नवे पत्रकार तयार करपाचें कार्य केलें. तशेंच ह्या पत्रकांतल्यान नवे बरोवपी तांणी तयार केले. गोंयांत कोंकणी वाचक वर्ग तयार

जावपा खातीर तांणी सुनापरान्त हें कोंकणींतलें पयलें देवनागरी दिसाळें सुरू केलें. तशेंच तांणी केल्लो हिंदी मराठी इंग्लेज सारके पत्रकारितेचो वावर व्हड आसा. देखून निश्कर्श स्वरुपांत अशें म्हणपाक जाता की चंद्रकांत केणींनी पत्रकारितेच्या मळार केल्लें कार्य खूब व्हड आसा.

***

## संदर्भ

1. ...... कोंकण टायम्स. दिवाळी अंक 2001. पान क्र. 9. लेख: म्हजी साहित्य साधना: केणी, चंद्रकांत.

2. ...... नवप्रभा, फेब्रुवारी 4, 2009. पान क्र. 2.

3. ...... जाग. दिवाळी-नातलां अंक, 2009. पान क्र. 9. लेख: चंद्रकांत केणी...: नायक, प्रकाश.

4. Dr. Sardessai, Manoharrai. A History of Konkani literature. Sahitya Akademi, New - Delhi; 2009. पान क्र. 187.

5. ...... कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान क्र. 6. लेख: चंद्रकांत केणी: पूर्वचरित: केळेकार रवीन्द्र.

6. केळेकार, रवीन्द्र. आधुनिक भारत के निर्माता: काकासाहब कालेलकर. प्रकाशन विभाग, सुचना और प्रसारण मंत्रालय, भारत सरकार; 1990. पान क्र. 518-519.

7. प्रा. नाडकर्णी, एस. आनी डॉ. कोमरपंत, सोमनाथ. (संपादक). गोमंतकीय मराठी वाङ्मयाचा इतिहास - खंड दुसरा. गोमंतक मराठी अकादेमी; 2003. पान क्र. 436.

8. ...... कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान क्र. 45. लेख: संपादन कलेंतले मेरूमणी चंद्रकांत केणीः पै, आनिल.

9. प्रा. नाडकर्णी, एस. आनी डॉ. कोमरपंत, सोमनाथ. (संपादक). गोमंतकीय मराठी वाङ्मयाचा इतिहास खंड दुसरा. गोमंतक मराठी अकादेमी; 2003. पान क्र. 443.

10. केळकार, रवीन्द्र.: भासाभास.

11. ...... जाग. दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान क्र. 9. लेख: चंद्रकांतः केळेकार, रविन्द्र.

12. ...... जाग. दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 32 ते 44. लेख: राष्ट्रमत... कितलेंशें गोंयमत?: कुंकळयेंकार सुशांत.

13. ...... सुनापरान्त, फेब्रुवारी. 4, 2009. पान क्र. 3.

14. प्रा. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. आनी मावजो, दामोदर. (संपादक). उदय भेंब्रेंच्या शष्टीपूर्ती भौमान, वाढदिसा निमतान काडिल्लें यादस्तीक. लेख: लिखणेक जंय तरसादेची धार: केणी, चंद्रकांत. पान क्र.

15. ...... जाग. दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 32 ते 44. लेख: राष्ट्रमत... कितलेंशें गोंयमत?: कुंकळयेंकार सुशांत.

16. तत्रैव;

17. ...... राष्ट्रमत. साप्टेंबर, 1 1988. पान क्र. 5. लेख: अपार कृतार्थतेची पंचवीस वर्षे -: केणी, चंद्रकांत.

18. ...... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 76. लेख-: 'चंद्रकांत मणी': देसाय, सुमेधा कामत.

19. ...... जाग. फेब्रुवारी अंक 2009. पान क्र. 10. लेख: एका इश्टाची कथा: म्हांबरो, अ. ना.

20. प्रा. नाडकर्णी, एस. आनी डॉ. कोमरपंत, सोमनाथ. (संपादक). गोमंतकीय मराठी वाङ्मयाचा इतिहास खंड दुसरा. गोमंतक मराठी अकादेमी; 2003. पान क्र. 209.

21. ...... नवप्रभा, फेब्रुवारी 4, 2009. पान क्र. 4.

22. ...... कुळागर. पयलो अंक 1979. पान क्र. 1. लेख: संपादकी लेख.

23. ...... The Navhind Times. February 4, 2009. पान क्र. 5. लेख: Keni contributed immensely to renaissance movement.:Bhembre, Uday.

24. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी,. म्हाळशी, कमलाकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मंडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 374.

25. ...... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 90. लेख: केणीबाब, एक तपस्वी पत्रकार: सावळ, गुरूदास.

26. केणी, चंद्रकांत: मुलाखत.

27. केणी, चंद्रकांत: मुलाखत.

28. …… जाग. दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 32 ते 44. लेख: राष्ट्रमत… कितलेंशें गोंयमत?ः कुंकळयेंकार सुशांत.

29. तत्रैव;

30. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्रः भासाभास.

31. ….. Goa Today. March 2009. पान क्र.. 24-25. लेख: Man with root and wing: Naik, Datta.

32. …… राष्ट्रमत. सप्टेंबर, 1 1988. पान क्र. 5. लेख: अपार कृतार्थतेची पंचवीस वर्ष -ः केणी, चंद्रकांत.

33. प्रा. नाडकर्णी, एस. आनी डॉ. कोमरपंत, सोमनाथ. (संपादक). गोमंतकीय मराठी वाङ्मयाचा इतिहास खंड दुसरा, गोमंतक मराठी अकादेमी; 2003. पान क्र. 406 - 461.

34. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 60. लेखः चंद्रकांतः गोंयांतलो हिन्दी भाशेचो प्रसारः सुर्लकार, मोहनदास सो.

35. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्रः भासाभास.

36. केणी, चंद्रकांतः मुलाखत.

37. केणी, चंद्रकांत. गोंय आनी गोंयकार, साहील प्रकाशन, पणजी - गोंय; 2002. पानक्र. 5.

38. पोतदार, के. ए. संपादक आनी संपादकीय, कौस्तुभ प्रकाशन; 1991. पान क्र. 88.

39. …… जाग. दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 32 ते 44. लेख: राष्ट्रमत… कितलेंशें गोंयमत?ः कुंकळयेंकार सुशांत.

40. पोतदार, के. ए. संपादक आनी संपादकीय, कौस्तुभ प्रकाशन; 1991. पान क्र. 88.

41. …… जाग. फेब्रुवारी अंक 2009. पान क्र. 10. लेख: एका इश्टाची कथाः म्हांबरो, अ. ना.

42. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 56. लेखः अस्तितापुरुश: सैल, महाबळेश्वर.

43. …… Goa Today. Janurary 1989. Interview of Chandrakant Keni by Naik Vinakay.
44. …… कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान क्र. संपादकीय.
45. केळेकार, रवीन्द्र. सर्जकाची आंतरकथा. जाग प्रकाशन. प्रियोळ - गोंय; 2000. पान क्र. 175.
46. …… The Navhind Times. February 4, 2009. पान क्र. 2.
47. …… नवप्रभा, फेब्रुवारी 4, 2009. पान क्र. 2.
48. …… सुनापरान्त. फेब्रुवारी 4, 2009. पान क्र. 3.
49. …… कोंकणी चवथ अंक 2009. पान क्र. 36. लेखः भौ चंद्रकांत केणी …: म्हाळशी, कमलाकर.

## 1.3 साहित्य निर्मती.

"साहित्य म्हळ्यार छायाचित्र न्हय, तें एक चित्र"[1], अशें चंद्रकांत केणी म्हणटात. कथाकार चंद्रकांत केणी हांणी साहित्यांत एक वेगळी सुवात जोडल्या, गोंयच्या नांवाजत्या साहित्यिकां मजगती चंद्रकांत केणींचें नांव आस्पावता. कोंकणी साहित्यांच्या मळार चंद्रकांत केणींक एक कथाकार म्हूण वळखतात पूण तांणी कथालेखना वांगडाच नवलिका, व्यक्तिचित्रणां, लघुनिबंध, अणभव, भुरग्यांचें साहित्य हे सारक्या साबार साहित्य प्रकारांचेर वावर केला. ह्या सगळ्या प्रकारांनी ते कथाकार म्हूण उरले. आपले साहित्य रचने विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "म्हजें साहित्य हें चडशें वर्तमानपत्री आनी थोडेंशें कथा साहित्य. एक दोन नाटिका, कांय बालकथा आनी प्रसंगाक धरून कांय ललीत लेख. साहित्याच्या मळार हांवें जी थोडीभोव साधना केल्या ती चड करून कथा साहित्याचीच".[2]

एक साहित्यीक म्हूण चंद्रकांत केणीचो साहित्या कडेन पयलो संबंद आयलो तो एक वाचक म्हुणून. तांणी ल्हान पिरायेंतूच घरांत आशिल्लीं तरेकवार पुस्तकां वाचलीं. तेन्ना सावन तांकां वाचनाची गोडी लागली. केन्ना केन्ना शाळेंतलो वावर आनी अभ्यास कुशीक दवरून लेगीत ते वाचपाक बसताले. वाचनाचो परिणाम तांचेर इतलो जालो की तो परिणाम तांकां बरोवपाची प्रेरणा हाडपाक लागलो. हे विशीं ते अशें सांगता, "....... वाचनाचे आवडीचो म्हजेर एक वेगळो परिणाम जालो. रवीन्द्रनाथ टागोरांची एक कथिका आसा 'नांवाचो खेळ', ते कथिकेंतल्या नायका भशेन ती अवस्था आसली. हांवें कितेंय तरी बरोवचें, कितें बरोवचें, कशें बरोवचें तें खबर नासलें - म्हजें नांव छापून येवचें अशी उमळशीक लागून उराताली. हांव बरोवंक लागलों ......".[3] तांच्या वाचनाचो इतलो प्रभाव पडलो की तांचे भितर आशिल्ले सृजनात्मक शक्तीची जाणविकाय तांकां तेन्नाच जाली आसतली.

आपली दर एक कथा बरोवपा फाटल्या आनंदा विशीं सांगता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "........ पूण इतलें खरें की दर एक कथा बरयतना, ती बरोवन पूर्ण जातकच म्हाका आनंद मेळ्ळा. तो कृतार्थतेचो, साफल्याचो वा सृजनाचो आनंद आसलो."[4]

आपलो पूत अभ्यासाक वेळ दिनासताना बरयता हें सर्गेस्त शांताराम केणींक, सदांच आडखळटालें. तसोच तांच्या फुडाराचो हुसको आनी भंय तांकां दिसतालो. तांकां दिसतालें की आपलो पूत (चंद्रकांत केणी) खूब शिकचो. हे विशी चंद्रकांत केणी सांगतात, "घरांत साहित्याक फावो तशें वातावरण नासलें. म्हजें साहित्य वाचपाचें आनी बरोवपाचें पिशें म्हज्या अभ्यास कडेन दुर्लक्ष करतां ताची म्हज्या आवय बापायक खंत जाताली. देखून आपणाक आपलें पयलें वयलें साहित्य लिपचोरयां करचें पडलें".[5]

चंद्रकांत केणी आपली साहित्य साधना करता आसतना हस्तलिखित साधना संबदान एक वेंचीक अणभव सांगतात. भुरगेपणांत तांचें हस्तलेखन बरें नासलें देखून ते अक्षरां उतरावन काडटालो. एक दीस तांचें देवनागरी अक्षर सुदारपाचें ह्या अभ्यासाचें हस्तलेखन कोणें तरी वाचलें, आनी इतले ल्हान पिरायेचेर इतलें बरें बरयता म्हूण तांची तोखणाय करपाक लागलो. तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणींक दिसलें, तो आपल्या अक्षराचीं वाखाण्णी करता, देखून त्या उपरांत ताचें अक्षर कितलें निवळ्ळां हें दाखोवंक तांणी दोन दिसां आदीं उतरावन काडिल्ले एका मासिकांतले कथेचें हातबरप ताका दाखयलें. ते कथेक माथाळो आसलो आनी ताच्या सकल एक फाकिवंत बरोवप्याचें नांव आसलें. त्या बरोवप्याचें नांव घेवन तोखणाय करतल्यान म्हळें, "तो बरें बरयता हें सगळें जाणात, पूण तुंय खूब बरें बरयता. तुजें बरप खंयच्याय नेमळ्या कडेन छापूंक कित्याक धाडिना." तेन्ना ताचो गैरसमज जाता हें कथाकार चंद्रकांत केणींच्या लक्षांत आयलें आनी तांणी ताका तांची सध्यां चल्ल्या ती साहित्य साधना न्हय तर अक्षर सुदारपाची साधना अशें सांगलें. तरी त्या मनशान तितल्याच मोठ्या मनान तांची तोखणाय केली, आनी म्हळें, "अशें! बरें! बरें!! साहित्य उतराळ घेत रावलो जाल्यार तुजें अक्षर निवळ जातलें. ऱ्हस्व, दीर्घ आनी व्याकरण सुदारतलें आनी स्वतंत्र लेखन करपाची तुजी तांक वाडटली". हीं उतरां आयकून कथाकार चंद्रकांत केणींक खूब बरें दिसलें.[6]

वाचनाचें आनी लेखनाचें चंद्रकांत केणीक ल्हान पिराये सावन पिशें आसलें. ते खूबशें वाचताले आनी थोडें बरयताले. तेन्ना गोंयांत दीस वेगळे तरेचे आसले. गोंयांत साहित्य उजवाडावपी नेमाळीं, म्हयानाळीं हीं साप्प उणीं आसलीं, अशी परिस्थिती आसून

लेगीत ते कथा बरोवपाक लागले. आपल्या पयल्या कथा साहित्या विशीं उलयता आसतना कथाकार चंद्रकांत केणी अशें म्हणटात, "तेन्ना गोंयांत पुर्तुगेज भाशेंतल्यान सरकारी मुखपत्रां भायर हेर दुसरीं कसलींच नेमाळीं नासलीं. देखून कथा लेखन हो आपणें बरोवन आपणेंच वाचपाचो प्रकार आसलो. अशा वातावरणांत सर्जनानंद घेवपाखातीर हांवें कथा लेखन सुरू केलें अशें म्हणूं येता".

आपणें कितें तरी बरोवचें आनी तें आपल्या नांवार छापून येवंचें हीं उमळशीक चंद्रकांत केणींनी पिरायेच्या सोळव्या वर्सा सावन इतली बळिश्ट जाली की केन्ना केन्ना शाळेच्या अभ्यासाचेर ताचें लक्ष थिरावनासलें. तांचें हें साहित्याचें पिशें चड नदरेंत भरपाक लागलें तें तांच्या बापोलयाच्या, देखून तो तांकां सदांच शिटकायतालो, "आदीं शिकून घे, मागीर बरोवंक सगलो जल्म आसा".[7]

तेन्ना तांकां तिव्रपणान दिसपाक लागले की आपली योग्यताय आपल्या घराच्या लोकांक दाखयले बगर आपणाक आपल्याच घरांत मान भौमान मेळचो ना. पूण तेन्ना ते सगळें कोंकणींतल्यान बरयताले आनी तेन्ना कोंकणींतल्यान वर्तमानपत्रां नासलीं आनी हें सगळें खंय छापून हाडून येता हो तांचे मुखार प्रस्न पडलो. तितल्यान पणजे सावन सुदैवान 'उ येराल्दु' ह्या पुर्तुगेज दिसाळ्याची कोंकणींतली सप्तकी आवृत्ती तांच्या हातांत पडली. तातूंत तांणी पयल्या तडाख्याक बरोवन तयार आशिल्ली एक कथा 'उ येराल्दु'क धाडून दिली आनी दुसऱ्या सप्तकांत ती छापून आयली.[8]

तेन्ना मळबांक हात लायिल्ल्याची खोस तांकां जाली. तांकां ओगीच दिसपाक लागलें की घरांतल्या लोकांचीय नदर आता बदलतली. पूण तशें कांय जालेना. पूण दुर्दैवान 'उ येराल्दु' दोन तीन अंक आयले उपरांत तें सातोळें बंद पडलें.

रवीन्द्र केळेकार, वामन सरदेसाय आनी दत्ताराम सुखठणकार हांच्यानी एकठांय येवन पणजे सावन येवपी 'उ येराल्दु' ह्या पुर्तुगेज दिसाळ्याची एक साप्ताहीक आवृत्ती सुरवात केली (आयताराची पुरवणी ल्हान स-आठ पानांची). हातूंत एक कथा सर्त जाहीर जाली. सर्तींत पयले कथेक शंबर रुपयांचें इनाम. हातूंत एकूच कथा आयली ती कांसावले साकून चंद्रकांत केणींची. 'उ येराल्दु'चेर छापून आयिल्ली पयली कथा म्हळ्यार 'मेवणो'

(1950).[9] 'मेवणो' हे कथेचें कथानक तशें सारकें सादें. नवेंच लग्न जाल्लें एक जोडपें, तें तेरा (13) नंबराच्या घरांत शारांत रावपाक वता. तांगेर एक अनवळखी मनीस येता, आपल्या घोवाचो भाव समजून बायल आनी घोव बायलेचो भाव समजून तांकां हुनहुनीत येवकार दितात. पूण तो वचपाक भायर सरता तेन्ना हो सगळो घुसपागोंदळ स्पश्ट जाता.

पिरायेच्या सोळाव्या वर्सा तांचे लिखणेंत एक आत्मविशवास आयलो. 'भारत मित्र' ह्या नामनेच्या मराठी म्हयनाळ्यांत तांचे लिखाण छापून येवन प्रसिध्द जावपाक लागलें. तांचे लिखणेचेर नारायण भास्कर नायक जो भारत मित्राचो संपादक आसलो, जो तांचे लिखणेचेर खूब खोशी आसलो. दामोदर मावजो भारत मित्रांतले वाचिल्ले चंद्रकांत केणीचे एकेक कथे विशीं सांगतात, "(चंद्रकांत केणींची) तांची एक काणी म्हाका अजून याद आसा. निवेदक रेल्वेन पयसुल्ल्या प्रवासाक आसतना सकाळीं फुडें गाडी एका स्टेशनाचेर थारता तेन्ना दोग भुरगे 'म्हजें वर्तमानपत्र विकतें घे' म्हूण ताचे कडेन हुज्जत घालतात. ताकाय पेपर जायच आसता. एकल्याचो पेपर घेतकच दुसरों पिरायेन मात्सो ल्हान आशिल्लो भुरगो व्हडल्या कडेन झगडटा आनी आपणालोय एक पेपर घे म्हूण निवेदकाचें फाटीक लागता. तांची तोखणाय आनी काकुळट करीत निवेदक ताचे कडल्यानूय तोच पेपर घेता. गाडी सुटपाक थोडो वेळ आसा म्हूण निवेदक लागशिल्ल्या च्याच्या स्टॉलार वता. तेन्ना फाटले वटेन ते दोगूय भुरगे पेपर विकून आयिल्ले पयशे मेजतना तो पळयता. तांचे संवाद आयकतकच ताका कळटा ते दोगूय खासा भाव आसतात. त्या इल्ल्याशा नेमाळ्याच्या एकाच पानार छापिल्ली ती ल्हानशी पूण काळजाक हात घालपी कथा पन्नास वर्सा उलगलीं तरी हांव अजून विसरूंक शकलों ना ही एकच गजाल त्या लेखकाच्या लेखन कुशळटायेची देख म्हूण दिवपाक पुरो."[10]

हाका लागून तांचो आत्मविश्वास वाडलो आनी तो आपल्यो कथा 'सविता', 'मनोहर' ह्या मराठी मासिकांनी धाडपाक लागलो आनी ताचें साहित्य तातूंत त्या वेळार छापून येवपाक लागलें. त्या वेळार 'सविता' ह्या मासिकांत एक कथा छापून आयिल्ली, ते कथेचो विशय असो आसलो. पुर्तुगेज सैनिकांच्या अत्याचाराक लागून गोंयांतल्यो बायलो असुरक्षीत आसल्यो. ते कथेचें नांव तांणी 'मुक्तता' अशें दिलें. त्या काळार घरांत वाचपाची

आवड आसली तरी बरोवपाक तितलशें उत्तेजन तांकां मेळनासलें, म्हणून तांकां ताचें पयलें बरप लिपुनूच करचें पडलें. ह्या कथांचो मोबदलो म्हूण चंद्रकांत केर्णींक पांच रुपयांची मनिऑर्डर आयली. पूण मनिऑर्डर आयली ती मडगांवच्या फाझेंदांत. आपल्याक आयल्या ती मनिऑर्डर हें चंद्रकांत केणीक कळ्ळें ना. तें समन्स जावंये अशें मानून ते फाझेंदांत गेलेच ना अशें मनोहराय सरदेसाय सांगता.[11]

चंद्रकांत केर्णींनी हायस्कुलांत शिकता आसताना कथा बरोवपाक सुरूवात केली. ‘भारत मित्र’ ह्या मासिकाचेर छापून आयिल्ले आपले एके कथेचो अणभव चंद्रकांत केणी सांगता, “एक मराठी कथा बरयिल्ली आनी ती ‘भारत मित्र’ ह्या मासिकांत छापून आयिल्ली कथा प्रथम पुरुशांत बरयिल्ली. ते कथेंत कथानकांत एक बायल कथेच्या नायकाचेर तो आपल्या जाळ्यांत सांपडना देखून ताजेर कशें बगलांट घालता हाजें वर्णन आसलें. ती कथा वाचून गांवचे एके जाणटे बायलेन म्हाका आपोवन व्हेलो आनी म्हळें, “बरें म्हूण बरें! असल्या बायलांपासून सांबाळ रे बाबा. तिजें कितें? तिगेलें जावपाचें सगळें जावन गेलां. तुजे मुखार पुराय जीण आसा”.[12]

1950 वर्सा सावन ते कोंकणी आनी मराठींतल्यान बरयताले. उपरांत मोट्रिकेची परिक्षा दिवपाक ते मुंबय गेले. थंय तांणी रेडियो खातीर बरोवपाक सुरूवात केली. आनी एक दीस तेच भावनेक लागून आकाशवाणीच्या कोंकणी विभागांत कामांक लागले. आकाशवाणी मुबंयच्या कोंकणी विभागांत ते 1952 म्हळ्यार सुमार एक वर्स उरले. थंय ताची वळख व्हड व्यक्तीं कडेन जाली तातूंत विष्णू नायक, आल्फ्रेड ब्रागांझ, जितेन्द्र अभिषेकी, विश्र्वंभर उजगांवकार, ललिता होनावर (खांडेपारकार) सारके आसले, हांचे बराबर कोंकणी खबरो केल्यो, तशेंच हेर कार्यावळींनी आपल्यो कथा वाचल्यो. तशेंच जेन्ना ते ऑल इंडिया रेडिओ खातीर वावर करताले तेन्ना तांणी स्वता बरोवन कांय कोंकणी नाटिकां रडिओचेर सादर केल्यो.

ह्या काळांत ‘साळीक’ हें म्हयन्याळें मुंबयसावन सुरू जालें, तांणी आपलें साहित्य उजवाडाक हाडलें. तातूंत तांची 1955 वर्सा ‘गुप्ती’ ही कथा उजवाडाक आयली. हे कथेचें कथानक सारकें सादें. एक नवें जोडपें, लग्न जातकूच घोव शारांत वावराक वता, बायलेक

घरा सोडून. शारांत सावन तो बायलेक कांय चिटयो बरता. पूण ताका तांचे बायलेची एकूय चीट मेळना उरफाटी कांय दिसांनी ताका ताच्या भावाची चीट मेळटा, तातूंत बरयल्लें आसता, तुजी बायल तुजी चीट घेवन आपले कुडीत वता आनी चीट पळोवन व्हड-व्हडल्यान रडटा. घोव घरा वचून चवकशी करता. तेन्ना ताका कळटा की आपले बायलेक वाचपाक बरोवपाक येना देखून ती चीट हातांत घेवन तिका पळोवन व्हड व्हडल्यान रडटाली, हें गुपीत उकतें जाता.[13]

उपरांत दिल्लीक गेल्ले थंय आचार्य काकासाहेब कालेकाराच्या सहवासांत रावताले आनी थंय तांचें साहित्यीक वाचन आनी बरोवप वाडत गेलें. दिल्लीक आसतना चंद्रकांत केणींनी हिंदींतल्यान साहित्य बरोवपाक सुरवात केली. तातूंत 'नई काहानियाँ', 'साप्ताहिक', 'हिन्दुस्थान', 'धर्मयुग' हातूंत तांचें साहित्य उजवाडाक येवपाक लागलें.

गोंय मुक्ती उपरांत चंद्रकांत केणी गोंयांत आयले आनी कोंकणी भास साहित्य निर्माण करपाचो वावर हातांत घेतलो आनी अखंडपणान तांणी कोंकणी साहित्याची सेवा केली. कांय वर्सां तांकां पार्किन्सन्साचें दुयेंत जालें. ताका लागून साहित्य साधनेंत बादा येवंची न्हय देखून पगारी बरोवपी दवरून तांणी साहित्यीक वावर तसो चालूच दवरलो. ह्याच दुयेंसांत ते भायर पडले.

चंद्रकांत केणींचें कथा साहित्य म्हळ्यार 'संवसारीक', तातूंत ताचें साहित्य एक समाज, संस्कृती कडेन बांदून रावनासतना, तांची शीम-मेर हुपून ती वैश्वीक तत्वां कडेन एक रूप जाता.

गोंय मुक्ती उपरांत गोंयांत भाशीक वाद सुरू जालो, आनी कोंकणी भास आपल्या अस्तित्वा खातीर झुजपाक लागली. तातूंत कोंकणी पत्रकारिता साप उणी आसली आनी जी आसली ती भाशीक संबदांत चड छापताली. तरी भाशीक वावर करता आसतना, साहित्य साधनेंत बादा पडलिना. नवें नवें साहित्य कोंकणींत तयार करीत रावले.

## कोंकणी साहित्य निर्मणी

कोंकणी भाशेंच्या पुनरुत्थाचो वावर शणै गोंयबाब हांणी केलो. तांणी कोंकणी साहित्यांत कितें ना म्हणटात तें हाडलें. तशेंच कोंकणी अस्मितायेक जाग हाडली. तर दुसरें

पिळगेंत कवीराज बाकीबाब बोरकार आनी प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी हो वावराक फुडें व्हेलो. तिसरे पिळगेन चंद्रकांत केणी सांगतान रवीन्द्र केळेकार, मनोहराय सरदेसाय, शंकर भांडारी अशें आसले.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी भाशेच्या मळार मोलादीक असो साहित्यीक वावर केला. तातूंत तांचे कथा आनी कथिका हे साहित्य प्रकार चड घोस्तचे आसले. तांणी चडांत चड साहित्य कोंकणीच्या मळार निर्मण केलें. तातूंत नवलिका, व्यक्तिचित्रां, समिक्षा, ललित निबंध, अणकार, भुरग्याचें साहित्य, इतिहासीक लेखन, नवलकाणी, नवलिका, संपादीत साहित्य, प्रवास वर्णन, वैचारीक साहित्या सारके साबार साहित्याचे प्रकार हाताळ्ळे.

साहित्याच्या मळार चंद्रकांत केणींनी वेगवेगळो वावर केलो. तातूंत तांणी गद्य साहित्यांत वावर खूब केला. तांणी केन्ना पद्य बरोवंक ना. हाचेर ते म्हणटात, "..... कवितेचे नेम आसतात हें शाळेंत शिकिल्लों. नेमांचें बंधन उरचें न्हय इतलेच खातीर हांवें कविते कडेन फाट फिरयली. बाकीचे सगळे साहित्य प्रकार हाताळ्ळे."[14] हाका लागून बंधनमुक्त रावपा खातीर तांणी गद्य साहित्य बरयलें.

## संपादीत साहित्य

गोंय मुक्त जावचे पयलीं कथाकार चंद्रकांत केणींनी संपादीत कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. ताचे नांव 'भूंयचांफीं'. तो तांणी सन्निधि राजघाट, नवी दिल्ली सावन उजवाडाक हाडलो, तसो तो श्री. गोपीनाथ सेठ, नवी प्रेस दिल्ली सावन छापून हाडलो.

ह्या भूंयचांफींत त्या काळा वयल्या पांच कथाकारांच्यो पांच कथा आसपावतात. तातूंत 'ओड' ही पांडुरंग भांगींची कथा सगळ्यांत पयली मेळटा. उपरांत 'रेनकोट' ही कृश्ण कारवार आनी 'बामणबुद्द' ही गुरूनाथ केळेकारांची कथा मेळटा. 'फुलकान्न' ही कथाकार चंद्रकांत केणी हांची कथा, तर 'सोरपाली बुद्द' ही कायतान मेंदिश हाची कथा मेळटा.

उपरांत 'कोंकणी कथासंग्रह' (1985) हो कथाकार चंद्रकांत केणींनी संपादीत करून हाडला आनी तो साहित्य अकादेमी, दिल्ली सावन उजवाडाक हाडला. तातूंत प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी 'येवकार' नांवान प्रस्तावना बरयल्या. हातूंत पंचवीस

कथाकाराच्या कथांचो आसपाव जाला. ह्या कथा संग्रहा विशीं नागेश सोंदे म्हणटात, "ताचें संपादनेचें सुत्र प्रसिद्ध कथाकार, कोंकणी भाशेचो मोगी आनी भाशेच्या विकासा खातीर तन मन धनान हातभार दिल्लो मनीस आशिल्ल्यान, ह्या संग्रहाक लागून कोंकणी भाशेच्या साहित्याच्या इतिहासाक एक गती मेळटाली म्हूण मानचें साहजीक जाता".[15]

तातुंतल्यो कथा म्हळ्यार, 'म्हजी बा खंय गेली?' (शणै गोंयबाब), 'केळ्यां घड' (प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय), 'दोन बळी' (बाकीबाब बोरकार), 'घुस्मटमार' (व्यंकटेश अंनत पै रायकार), 'भेट' (पांडुरंग भांगी), 'सांवळो सर्गार वेता' (मनोहराय सरदेसाय), 'हिप्पी चली' (चंद्रकांत केणी), 'गवेत उकतें जायना' (अ. ना. म्हांबरो), 'प्रसादाफूल' (उदय भेंब्रो), 'विकऱ्याची वस्त' (सुरेश काकोडकार), 'व्होंकल' (ओलव्हीन गोमीश), 'दिसासपन' (दत्ता नायक), 'कोंयसांवलीं गोरवां' (दामोदर मावजो), 'कासय' (पुंडलीक ना. नायक), 'दोंगर चंवल्ला' (मीना सु. काकोडकार) आनी हेर कथा आसात.

1989 वर्सा व्ही. एम. साळगांवकर प्रतिष्ठनेच्या वतीन 'तीन दसकां' (1961-90), ह्या पुस्तकाचें संकलन आनी संपादन करून कथाकार चंद्रकांत केणींनी उजवाडाक हाडलें. हातूंत पयल्या दसकांत 1961 ते 1970 मेरेनच्या काळांतल्या कथांचो आसपाव आसा. दुसरें दसक 1971 ते 1980 काळाचें आसा तर तिसरें दसक 1981 ते 90 मेरेनचें आसा. पयल्या दसकांत 15 तर दुसऱ्या दसकांत 23 आनी तिसऱ्या दसकांत 13 बरोवप्याचें बरप वेगवेगळ्या साहित्यांत आस्पावता, तातूंत कथा, नाटक, कविता, निबंध हे प्रकार मेळटात.

'इंग्लीश, हिंदी आनी कोंकणी उतरावळ' हो कथाकार चंद्रकांत केणींनी संकलन करून संपादीत केलो, हें उतरावळीचें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीन 1990 वर्सा उजवाडायलां. ही उतरावळ उजवडावपा फाटल्यान विशिश्ट कारणां दिता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "इंग्लीश माध्यमाच्या हायस्कुलांनी आनी उच्च माध्यमीक कॉलेजांनी कोंकणी आनी हिंदी हे विशय शिकयतल्या शिक्षकांक ज्यो अडचणी येतात त्यो मतींत घेवन ही उतरावळ तयार केल्या."[16] हें पुस्तक दुसरे खेपे 2003 वर्सा उजवाडाक आयलां.

'कथा भारती' हो संपादीत - अणकारीत कथासंग्रह, जो कुळागर प्रकाशनान 2006त उजवाडायला. हातूंत आठ विंगड विंगड भाशांतल्या आठ कथाकारांच्यो कथा आसात. तातूंत

बंगाली कथाकार मनोज बसु (जुळूंक नाशिल्लें नातें), मराठी कथाकार सदानंद रेगे (पाळणें), सिंधी कथाकार मोहन कल्पना (मर्णाचो घेर), असमिया कथाकार निरोध चौधुरी (गंगा अशीच व्हांवता), मैथिली कथाकार हरि मोहन झा (तेंपा प्रमाणें माथ्याक कुरपणे!), गुजराती कथाकार चंद्रकांत बक्षी (दोळ्यांनी आयकुपी दादा. (हे एकेच कथेचो अणकार रवीन्द्र केळेकारांनी केला)), बंगाली कथाकार शंकर (न्युयॉर्काचें निर्भेळ दूध), उर्दू कथाकार सआदत हसत मंटो (खुदा की कसम) ह्या कथाकारांच्या कथांचो आसपाव हातूंत केला. तेच बाराबर कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपले 'हिप्पी चली' हे कथेचो आसपाव हातूंत केला. तशेंच हेर कथां वांगडा 'साबारांमदलो एक' हें व्ही. एस. नायपॉल हांचे नवलकाणेंतलें एक प्रकरण तातूंत आसपावता. ह्यो कथा संपादन करून पुस्तक रुपान हाडपा फाटलें कारण दितना चंद्रकांत केणी सांगतात, "नेमाळ्याच्या अंकानी असल्यो अणकारिल्ल्यो कथा उजवाडाक येतात, पूण दुसऱ्या दिसा तांची रद्दी जाता. ह्यो कथा वाचप्यांच्या संग्रहात उरच्यो हे खातीर पुस्तिकेच्या आकारांत उजवाडायल्यात."[17]

## <u>नवलकाणी आनी नवलिका</u>

लघुकथा आनी नवलकाणी हो कथानकाच्या आनी हेर कांय आंगांनी सारकाय आशिल्लो साहित्य प्रकार आसा. तशें आसून लेगीत चंद्रकांत केणींनी व्हड प्रमाणांत कथा साहित्य निर्माण केलां. कथा आनी नवलकाणी हाच्या मदीं सारकाय आसून लेगीत तांणी एकूच नवलकाणी बरयली - 'बर्मी दीस'. ही नवलकाणी 1994 वर्सा कुळागर प्रकाशनान उजवाडाक हाडली. तांचें कथानक घडटा तें दुसऱ्या म्हाझुजा वेळार. दुसरें म्हाझूज पेटलें तेन्ना ब्रिटीश नेव्हींत आशिल्ल्या बापायन इंग्लंडाक शिकतल्या आपल्या पुताक सुरक्षीत अशा गोंयांत परतुपाचो आदेश दिलो. तो नायक मेजर ॲन्थनी रॉड्रीग्स, परत गोंयांत येतना बोट रंगूनाक उरता. भारतांत वचपाक मेळना आनी इंग्लंडाक परतून वचपाक मेळना अशे परिस्थितींत तो कांय दीस रंगूनाक सारता. तातूंत ताणे कांय दिसा खातीर मांगशीश नांवाच्या संस्थानिकेचो सेक्रेटरी म्हणून चाकरी केली, त्या दिसांच्या अणभवांचेर आदारिल्ली ही नवलकाणी आसा. हे नवलकाणये विशीं उलयता आसतना दामोदर मावजो म्हणटात, "'बर्मी दीस' कादंबरेंत बर्मी वातावरण आनी थंयचो भावार्थ वाचकां मुखार बेस बरे येतात."[18]

मुखार तांच्यो सात नवलिका मेळटात. तातूंत ‘एकलो एकसुरो’ (आनी दोन कथा) ही नवलिका मेळटा. ती 1973 वर्सा सोबीत साहित्य प्रकाशन हाणें प्रकाशीत केल्या. उपरांत 2006 वर्सा गोवा कोंकणी अकादेमीन ती कोंकणी रोमी लिपींत अनुवाद करून हाडल्या. एकलो एकसुरो हे नवलिकेंत दोन कथा मेळटात, त्यो ‘मर्ण लेगीत लजेलें’ आनी ‘खून करप सोपें न्हय’ अशो. ‘एकलो एकसुरो’ ही नवलिका मोहनदास सुर्लकार हाणें ‘एकांत’ ह्या नांवान हिंदी अणकार करून हाडल्या.

उपरांत ‘एक सपन सपनेलें’ 1986 वर्सा उजवाडाक आयली. तर ‘विराट’ (1994), ‘श्रीनिवास’ (1996), ‘नातीं दोन दिसाचीं’ (1997), ‘समर्पण’ (2006), ‘नायिका’ (2006) अश्यो वेगवेगळ्या विशयां वयलो हो नवलिका आसात.

## निबंध

जेन्ना कोंकणी दिसाळें ‘सुनापरान्त’ सुरू जालें तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणी दर बुधवारा ‘ल्हारार ल्हार’ ह्या नांवान एक सदर बरयताले, ह्या सदरांतले बऱ्यांतले बरे निबंद एकठांय करून ‘बिम्बां-पडबिम्बां’ हो निबंदसंग्रह तयार केला. 1981त तो कुळागरान प्रकाशीत केलो. विंगड विंगड विशय तातूंत मेळटात. देखीक - ‘आशाढांतलो पयलो पावस’, ‘जीब’, ‘भांगराचें पिशें’, ‘सूख आनी दूख’ ‘जोतें’ ‘चलपाचे फायदे’, हेर विशयांचेर आपले विचार तांणी व्यक्त केल्यात.

तशेंच तांचे कितलेशे निबंध हेर पत्रकांनी शिंपडिल्ले आसात, जे पुस्तक स्वरुपांत आजून येवंक नात. ‘बिम्बां-पडबिम्बां’ ह्या निबंदसंग्रहाक 1990 वर्साचो डॉ. पै. फावंडेशनाचो पुरस्कार फावो जालो. उपरांत ‘आपालिपा’ ह्या नांवा खाला 2007 वर्सा ताचो ‘आपा-लिपा’ हो निबंध संग्रह प्रकाशीत जाल्लो मेळटा.

## अणकारीत साहित्य

कथाकार चंद्रकांत केणी हे एक सर्जनशील साहित्यकार, तांणी कथां भायर बऱ्यांतलें बरें हेर भाशांतलें साहित्य अणकार करून कोंकणी भाशेंत हाडलां. ह्या तांच्या अणकारीत साहित्या विशीं उलयता आसतना डॉ. माधवी सरदेसाय म्हणटात, “सलमान रश्दींचें नांव

गाजूंक लागचे आदींच तांची एक नवलिका चंद्रकांतबाबान इंग्लिशींतल्यान कोंकणींत हाडून कुळागरांत उजवाडायल्ली”.[19]

काशिनाथ हो तांचो सगळ्यांत पयलो अणकार आसा. ही शरदचंद्र चट्टोपाध्याय ह्या फामाद बंगाली साहित्यकाराची साहित्यकृती (नवलिका). ती जाग प्रकाशनान 1977 वर्सा प्रकाशीत केली.

‘वणटी’ ही मल्याळम साहित्यांत वायकोम बशीर हाची साहित्य कृती आसा. वणटी हे नवलिकेंत दोन मल्याळम नवलिकांचो आस्पाव जाता. वणटी आनी कुलकुलाट. 1987 वर्सा कुळागर प्रकाशनाखाला ती प्रकाशीत केली.

1997 वर्सा गुजराती साहित्य पुरस्कृत व्हड साहित्यकार कुंदनिका कापडिआ हांची नवलकाणी ‘सात पग आसमान’ हाचो अणकार कोंकणींत ‘सात पावलां मळबांत’ ह्या नांवा खाला चंद्रकांत केणींनी करून हाडला. ह्या अणकारा खातीर तांकां साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा.

1997 ‘त्रिवेणी’ हो मूळ बंगाली कथाकार रवीन्द्रनाथ ठाकुर हांचो तीन कथांचो अणकार करून कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणींत हाडलो. तो साहित्य अकादेमी, दिल्ली हांणी उजवाडाक हाडला.

प्रा. श्यामचरण दुबे हे आंतरराष्ट्रीय किर्तीचे समाजशास्त्रज्ञ, तांणी ‘इंडियन व्हिलेज’ ह्या नांवाखाला 1955 वर्सा समाजशास्त्राचेर आधारून पुस्तक प्रकाशीत केलें. हें पुस्तक म्हळ्यार भारतीय समाजाच्या अभ्यासांतलें एक मोलीक पावल जावन आसा. भारतीय समाजाची घडण, विविधताय आनी एकचार, वर्ण आनी जाती, गांवगिरे आनी नागरी संदर्भ, नागरीकरणाची रचणूक, बायल-दादलो संबंध, अशा विंगड-विंगड विशयांचेर उजवाड घालपी मोलादीक पुस्तक आसा. ह्या पुस्तकाचो अणकार ‘नॅशनल बुक ट्रस्ट इंडिया’ ह्या प्रकाशनान भारतांतल्या विंगड-विंगड भासांनी केला, कोंकणी अणकार चंद्रकांत केणींनी केला.

मूळ रशियन लेखक ए. एस. पुश्कीन हांची नवलिका ‘हुकमाची राणी’ हिचो कोंकणी अणकार करून 2006 वर्सा चंद्रकांत केणींनी उजवाडाक हाडला. 2006 वर्सा टागोरांच्या कांय कथिकांचो अणकार केला, त्यो ‘दवा थेंब’ ह्या पुस्तकांत मेळटात.

तशेंच तांच्यो कांय कथा अणकार जावन हेर भासांनी गेल्यात. तातूंत देखीक 'हिप्पी चली', 'अहिल्या', 'रिकांमी फास्की', 'व्हंकल पावणी' आसात.

## कथा साहित्य

कथा हो साहित्य प्रकार कथाकार चंद्रकांत केणींचो चड घोस्ताचो. तांणी कोंकणी साहित्यूच न्हय तर हेर भारतीय भासांनीय बऱ्या दर्जाच्यो कथा बरयल्यात. तांणी सुमार 1950 ते 2009 वर्सा मेरेन म्हळ्यार मरसर कथा बरयल्यात. तांचे विशीं उलयतना पुंडलीक ना. नायक म्हणटात. "चंद्रकांत केणी हांकां आर्विल्ले कोंकणी कथेचे बुन्यादीचे रचनाकार म्हण पाचारूं येता. मोजक्या प्रसंगांतल्यान आनी मोजक्याच पात्रांच्या रेखाटनांतल्यान सादिल्लो लघुकथेचो एकलक्षी परिणाम, तंत्रशुद्धताय ह्या वैशिश्टयांनी परिर्पूण अश्यो कथा तांणी फाटल्या चाळीस वर्सांनी अखंडीतपणान आनी सातत्यान कोंकणीक दिल्यो".[20]

चंद्रकांत केणींनी कोंकणींत जायत्यो कथा बरयल्यात, तातूंत ते पयली वर्तमानपत्रां खातीर बरयताले. उपरांत कांय कथासंग्रह प्रकाशीत केल्यात. 1964 वर्सा तांचो 'धर्तरी अजून जियेताली' हो पयलो कथासंग्रह भायर सरलो, तातूंत 1956 ते 1963 वर्सांतल्या कथांचो आसपाव जाला.

उपरांत 'अळमी' हो कथासंग्रह 1975 वर्सा मेळटा. 1973 वर्सा 'आशाढ पांवळी' हो कथा संग्रह मेळटा. तर 1985 वर्सा 'व्हंकल पावणी' हो कथा संग्रह प्रकाशीत जालो. ताका 1989 वर्सा कोंकणी साहित्य अकादेमी पुरस्कार मेळ्ळा. तशेंच 1986 वर्सा कला अकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा. ह्या तीन कथा संग्रहांक कथाकार चंद्रकांत केणी कोंकणी कथेच्या विकासाचे पयले तीन पांवडे अशें मानतात.[21]

1994 वर्सा 'जयं वतां थंय' हो कथा संग्रह मेळटा. 2004 वर्सा 'बहुरत्ना वसुंधरा' आनी 2007 वर्सा 'रूपां आनी रूपडीं' हे कथासंग्रह मेळटात.

तांच्या वांगडा कोंकणी 'कथिका' हो कथा साहित्य प्रकार हाडला. तांचे तीन कथिकासंग्रह मेळटात. तातूंत पयलो 'कथिका' 1993 वर्सा, तर 'मेघ-मल्हार' (1994) हो तांचो दुसरो कथिका संग्रह जावन आसा. 2007 'दवा थेंब' नांवाचो एक कथिका संग्रह उजवाडाक आयला, हो कथिका संग्रह दोन भागांनी आसा, पयल्या भागांत रवीन्द्रनाथ टागोर

हांच्यो णव कथिका अणकार करून कोंकणी गद्यांत हाडल्यात, तर दुसऱ्या भागांत चंद्रकांत केणींच्या धा कथिकांचें संकलन केलां.

ताचे वांगडाच तांचो 'तरेतरेचीं संवगां' हो काणलां (anecdotes) संग्रह 1973 वर्सा प्रकाशीत जालो. तातूंत अ. ना. म्हांबरो हांणी ह्या 'तरेतरेचीं सवंगां'क काणलां अशें म्हळां.[22] आनी ह्या शब्दाचो अर्थ दिता आसतना, काणलांचेर आपले विचार व्यक्त केल्यात.

## वैचारीक साहित्य

चंद्रकांत केणींनीन वैचारीक साहित्याची निर्मणी व्हड प्रमाणांत केल्या, तातूंत तांचे पयलें पुस्तक म्हळ्यार 'साहित्य स्वाध्याय' जें 1996 वर्सा कुळागर प्रकाशनान मडगांव प्रकाशीत केलां, तर साहित्याच्या विंगड-विंगड विशांचेर विचार उक्ते केल्यात. हें पुस्तक रचपा फाटल्या कारणांचें स्पश्टीकरण दिता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “हालींच्या वर्सांनी 'साहित्य' ह्या विशयाचेर चर्चा जाता तशी आदीं जाताली. पूण असले चर्चेकडेन म्हजो संबंद येना आसलो. जेन्ना तो आयलो तेन्ना म्हाका दिसलें, हें साहित्यशास्त्र समजून घेवंक जाय. साहित्य शास्त्रा वयले ग्रंथ वाचून ते शिकचेपरस हांवें साहित्याची म्हजे नदरेन चिकित्सा सुरू केली. त्या प्रयत्नांचें हें फळ. 'साहित्य स्वाध्याय' ह्या नांवान हें पुस्तक आज उजवाडाक येता.”[23] ह्या पुस्तकांत साबार तरांच्या साहित्य संबंदीचे विशय आसात. 93 पानांच्या ह्या आटपशीर पुस्तकांत वट्ट 15 लेख आसात, जे साहित्याच्या विंगड-विंगड प्रकारांचेर, तांच्या तत्वांचेर आनी सिध्दांतांचेर आदारून आपले विचार व्यक्त केल्यात.

ह्या पुस्तका विशीं साहित्य नियाळ करता आसतना प्रियदर्शनी तडकोडकार अशें बरयता, “चंद्रकांत केणींच्या 'साहित्य-स्वाध्याय' ह्या कुळागर प्रकाशनाच्या पुस्तकान कोंकणी वैचारीक साहित्यांत मोलाची भर घाल्या. तशें पळोवंक गेल्यार कोंकणींत साहित्यशास्त्राचेर वा साहित्या विशींच्या प्रस्नांचेर गंभिरतायेन बरप चडशें जावंक ना”.[24]

'गोंय आनी गोंयकार' हें चंद्रकांत केणींचें दुसरें पुस्तक. 2002 वर्सा साहिल प्रकाशनान तें उजवाडाक हाडलां. ह्या पुस्तका विशीं उलयता आसताना डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार म्हणटात, “गोंय आनी कोंकणी भास, हांचेर काळजा सावन मोग करपी, हो व्हड गोंयकार. तांच्या काळजांतलें गोंय आनी कोंकणी भास, हांचे विशींचो उपाट मोग हो आमकां

तांच्या समाजीक वावरांत आनी तांणी निर्मिल्ल्या साहित्यांत घसघशीतपणान जाणवता. अशेंच तांचें एक पुस्तक म्हणल्यार 'गोंय आनी गोंयकार'."[25] गोंय आनी गोंयकार नांवान फाटलीं चाळीस वर्सां ते एक सदर कोंकणी आनी मराठी नेमाळ्यांनी बरयताले. तातूंत तांणी स्वतंत्र गोंयच्या फुडाराच्या प्रस्नांचेर आपले विचार आनी मतां उक्तायल्यांत. ह्या लेखां मदले बरे 37 वेंचीक लेख संकलीत करून 'गोंय आनी गोंयकार' ह्या पुस्तकांत संग्रहीत जाल्यात.

तातूंतले कांय लेख म्हळ्यार, ' गोंय .......', '..... आनी गोंयकार', 'गोंयकारपणाचें लक्षण', 'घटक राज्य आयलें पूण', 'गोंय म्हजो भांगराचो कुडको', 'हात लागता थंय भांगर', 'भूंय आनी भास', 'कोंकणी भास आनी घटनेची आठवी वळेरी' अशे आसात.

## भुरग्यांचें साहित्य

चंद्रकांत केणींनी हेर साहित्या वांगडाच भुरग्यांचें साहित्य लेगीत बरयलां. तांचें 1972 वर्सा 'फुलांचो हात' हें पुस्तक उजवाडाक आयलां. ह्या पुस्तकांत भुरग्यांक आकर्शक दिसचें देखून कांय चित्रां आसात. ह्या पुस्तका विशीं उलयता आसतना कथाकार चंद्रकांत केणी म्हणटात, "ही काणी पुराय स्वतंत्र न्हय, तशी ती अणकारिल्लीय न्हय. सुमार वीस वर्सां आदीं फ्रेंच लेखक मों. मॉरिसे द्रुआं हांची 'तिस्तू' नांवाची एक भुरग्यां खातीर बरयल्ली कांदबरी हांवें वाचिल्ली. 1966 वर्सा हांवें ते कांदबरीच्या कथानकाचेर आधारिल्ली ही काणी बरोवन काडली. बरयता आसताना मूळ पुस्तक म्हज्या हातांत नासलें. म्हाका जें कथानक याद उल्लें ताज्या आदारान ही काणी बरयल्या."[26]

'काणयांचें कपयाळें' हें कुळागर प्रकाशनान 1986 वर्सा उजवाडाक हाडलां. 1996 वर्सा राजहंस वितरणान 'कामील' हें तांचें भुरग्यांसाहित्याचें पुस्तक प्रकाशीत केलां.

## इतिहासीक साहित्य

इतिहासीक साहित्या मदीं 'इतिहास' (कोंकण) आनी 'गोवा कोंकण आणि महाराष्ट्र' (मराठी) हीं दोन पुस्तकां चंद्रकांत केणींनी उजवाडाक हाडल्यांत. ह्या दोनांय पुस्तकांनी गोंयच्या सामाजीक, शिक्षणीक, धार्मीक, राजकीय, सांस्कृतीक तशेंच कोंकण आनी महाराष्ट्र

ह्या दोन प्रदेशांतलो संक्षिप्त इतिहास लेगीत मेळटा, देखून हीं दोनूय पुस्तकां साहित्यीक आनी इतिहासीक संदर्भान मौलीक थारतात.

इतिहासाचे नदरेंतल्यान मराठी परंरा आनी कोंकणी विकास आनी हांकां म्हत्व दिवन, भाशावादावयलें आपलें मनोगत व्यक्त केल्लें आसा. 'गोवा कोंकण आणि महाराष्ट्र' (1964) हातूंत जनार्दन फळदेसाय हांचे दोन लेख मेळटात, प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांचे दोन लेख मेळटात ते 'कोंकणी आंदोलनाचें सामर्थ्य' आनी 'झालाच पाहिजे!'. जाल्यार आनंद य. हळदणकर हाचे 'कोंकणीः भारताचा एक सांस्कृतिक घटक', अशे दोन लेख मेळटात. 'भारताशी भावनीक एकात्मता', 'शिष्टांची भाषा आणि लोकांची भास', 'एक लिपी आनी तीन भाषा' हातूंत चंद्रकांत केणींनी विचार व्यक्त केल्यात.

## प्रेम पत्रां हो एक साहित्य प्रकार

साहित्यांत वेगवेगळे साहित्य प्रकार आसात, तातूंत 'प्रेमपत्रां' हो एक साहित्य प्रकार आसा. तसोच संवसारीक साहित्यांत ह्या प्रेमपत्रांक एक सागित्य प्रकार म्हूण मान्यताय मेळ्ळया. तसो हो प्रेम पत्रांचो प्रयोग चंद्रकांत केणींनी कोंकणींत केल्लो आसा.

चंद्रकांत केणी एका म्हयनाळ्या खातीर हीं प्रेमपत्रां बरयताले, पूण कांय दिसांनी तें म्हयानाळें बंद पडले उपरांत तांणी कुळागर ह्या म्हयनाळ्यांत तीं परतून उजवडाक हाडलीं, उपरांत 1991 वर्सा तीं सगळीं प्रेमपत्रां संग्रहीत केल्लीं 'रातभर पावस' ह्या पुस्तकांत वाचपाक मेळटात.

ह्या पुस्तका विशीं उलयता आसतना कथाकार चंद्रकांत केणी म्हणटात, "रातभर पावस ह्या नांवान उजवाडाक येतात तीं कांय प्रेमपत्रां वेगळ्या वेळार बरयिल्लीं, पूण एकेच काल्पनीक प्रेयसीक लेखून तीं बरयिल्लीं आशिल्ल्यान ह्या प्रेमपत्रांनी कथेचें रूप घेतिल्लें आसलें तरीय ती कथा न्हय वा कादंबरीय न्हय. एका कोंकणी म्हयनाळ्या खातीर संपादकान वेगळे तरेचें बरप मागलें आनी हांवें ताका म्हळें, प्रेमपत्रां हो एक साहित्य प्रकार. तोय संवसारीक साहित्यांत मान्यताय मेळोवंक पावला. तसो एक प्रयोग आमी कोंकणीतं करुया."[27] अशे तरेन हो प्रेमपत्रां एक साहित्यीक प्रयोग आसा.

ह्या प्रेमपत्रां विशीं उलयता आसतना दामोदर मावजे म्हणटात, "मुळांत नेमाळ्यां खातीर बरयिल्लें तेन्ना एक एक पत्र वाचतना तें वाचनीय जाल्लें. पूण उपरांत सलग सगलीं पत्रां वाचतना कांय पानां वाचून जातकच उबगण येता, पुनरावृत्ती जाणवता, ते भायर सलग छापिल्ल्यान एक पत्र खंय सोंपता आनी दुसरें खंय सुरू जाता तेंच समजना. ताका लागून वाचकांचो गोंदळूय जाता आनी उबगणूय येता."[28]

## लोकवेद

चंद्रकांत केणी हांचें सगळें भुरगेपण आनी जुवानपण कांसावले गांवांत सरलें. थंयचे उत्सव आनी फेस्तां तांणी लागीं सावन पळयल्यांत, जेन्ना कोंकणी अकादेमी गोंयच्या लोकवेदाचें संकलन करताली तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणीं कडल्यान 'कांसावले रायां फेस्त' अशें सुपुल्लें लोकवेदा वयलें पुस्तक तयार करून घेतलें. 1996 वर्सा गोवा कोंकणी अकादेमी तें उजवाडाक हाडलां. तातूंत कांसावलेचे रायां फेस्त कशें जाता हाची महिती मेळटा.

## प्रवास वर्णन

कथाकार चंद्रकांत केणींनी हांकां 'भोंवती भागिरथ' म्हूण कांय लोक मानतात. ते खंय भोंवले हाजे कोंत आनी हिशोब ना. हे विशीं कुळागराचे संपादक म्हणटात, "चंद्रकांतबाबांक कांय लोक 'भोंवती भागिरथ' म्हूण वळखतात, ते सदांच भोंवत आसतात. आज हांगां जाल्या फाल्यां आनी खंय तरी. भारतभर भोंवल्यात. तांकां एका जाग्यार केन्ना थारो म्हूण नासता. कांय लोक तांकां (वृत्तपत्रकार जाल्ल्यान) 'भोंवपी नारदूय' म्हणटात. राष्ट्रमता खातीर अग्रलेख वा हेर लिखाण डिक्टेट करतनाय तांकां कार्यालयांत पासयो मारीत उलयतना खूब जाणांनी पळयला आसतलें. अशा ह्या भोंवडेकारान निखटीं प्रवास वर्णनांच बरयिल्लीं जाल्यार पसून कोंकणींत कितलीशींच पुस्तकां जावं येतालीं."[29]

तशेंच सगळ्यो भोंवड्यो तांणी बरोवन दवरिल्ल्यो जाल्यार कोंकणींत कितलीं प्रवासवर्णनां मेळटलीं आसलीं. तातूंत 'नैनीताल जंय एक याद गोठली' हो तांचो प्रवासवर्णनात्मक निबंध. हो पयली 1984 वर्सा (जानेर) कुळागरांत छापून आयलो. उपरांत तो कोंकणी ललीत निंबध हातूंत संग्रहीत जालो.

1979 वर्सा कुळागर दिवाळी अंकांत ‘आवय भुंयच्या चरणांकडेन’ (कन्याकुमारी) ह्या नांवाखाला प्रवासवर्णन निबंद स्वरुपांत छापून आयलें.

## हेर बरपावळ

1968 वर्सा भारतीय भाशा संशोधन हाणें चंद्रकांत केणींचें ‘मायेचे फोस’ नांवाचें एक पुस्तक उजवाडाक हाडलें. वेंचीक कपयाळ्यांनी रंगयलें ‘उश्णीं वायणां’ हें पुस्त जें कुळागर प्रकाशनान 1984 वर्सा प्रकशीत केलां.

## मराठी साहित्य निर्मणी

जेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणीन बरोवपाक पयली वयली सुवात केली तेन्ना ताणें तीं कोंकणी आनी मराठींतल्यांत केली. तांच्यो कांय पयल्यो वयल्यो कथा मराठींत प्रकाशींत जाल्यो. तातूंत तांच्यो कांय कथा ‘भारत मीत्र’, ‘सविता’, ‘मनोहर’ ह्या मासीकांतल्यात उजवाडाक आयल्यो. उपरांत राष्ट्रमताचो संपादक म्हूण ताणें मराठींत साहित्य निर्माण केले.

जेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणी मराठींत साहित्य बरोवपाक लागले तेन्ना गोंयांत राजकी, सामाजीक, आनी भाशीक परिस्थिती खूब वायट आसली. तरी आसताना ताणें मराठींत जायते साहित्य निर्माण केला. तांचे चडात चड साहित्य विंगड विंगड नेमाळ्यांनी शिपडिल्लें आसा.

## ललित लेखन

1994 वर्सा चंद्रकांत केणींनी ‘प्रतिबिंब’ नांवाचो निबंध संग्रह उजवाडाक हाडला. ह्या संग्रहाक श्री. माधव गडकरी हांणी प्रस्तावना बरयल्या. हातूंत तांणी विंगड विंगड विशय हाताळ्ळ्यात. कांय लेख प्रवासवर्णनात्मक आसात तर कांय ‘स्त्री मुक्ती’, ‘धर्म’ ह्या विशयांचेर आसात, तर कांय हेर विशयांचेर आसात. तातूंत ‘वृक्षपुराण’, ‘वृक्षवल्ली आम्हां सोयरी’, ‘गुलमोहराचे झाड’ सारके सैमीक वर्णनात्मक निबंध आसात.

1995 वर्सा कथाकार चंद्रकांत केणींक प्रतिबिंब ह्या संग्रहाक कला अकादेमीचो गोवा साहित्य पुरस्कार मेळ्ळा.

## चरित्र लेखन

कथाकार चंद्रकांत केणी गोंयचे नामनेचे वेपारी तशेंच गोंयच्या रासवळ, सांस्कृतीक, शिक्षणीक, राजकी क्षेत्रांत वावुरपी व्यक्ती म्हळ्यार वासुदेव साळगांवकर आनी वसंतराव धेंपे हांचे चरित्र आनी परिचयलेखन करून मराठींत उजवाडाक हाडल्यात. पुरषोत्तम काकोडकार गौरवग्रंथ, जो 15 ऑगस्ट 1988 वर्सा उजवाडाक आयला हातूंत कोंकणी, मराठी आनी इंग्लीश अशा तीन भासांतल्यान बरयल्या. तातूंत चंद्रकांत केणींनी लेगीत आपले विचार व्यक्त केल्यात. तांणी 'एका पुरषोत्तमाचो अमृत महोत्सव' हो लेख बरयला.

## धार्मीक साहित्य

कथाकार चंद्रकांत केणींनी धार्मीक साहित्य अंतर्गत खूब वावर केला. तांणी सुमार धा पुस्तकां धार्मीक साहित्याचेर बरयल्यांत. तातूंत 'जीवोत्तमतीर्थ', 'श्रीपूर्णप्रज्ञतीर्थ', 'श्रीपद्‌मनाभतीर्थ', 'श्री इंदिराकांतातीर्थ', 'श्री कमलानाथतीर्थ', 'श्री द्वारकानाथतीर्थ', 'अष्टसिध्दि', 'परिक्रमा', '....... तेथें कर माझे जुळती', 'कैवल्या मठ' (संक्षिप्त इतिहास) अशी मेळटात.

## इंग्लेज साहित्य

कथाकार चंद्रकांत केणींन इंग्लीश साहित्यांत मोलादीक योगदान दिलां. तांणी जेन्ना इंग्लिशींतल्यान पत्राकारितेंतल्या बरोवपाक सुरवात तेन्ना 'दी नवहिंद टायमस' ह्या दिसाळ्यांत, तांणी 'Goa and Goans' आनी 'What Goa need?' ह्या नांवाखाला भौरंग विशयाचेर आपले विचार व्यक्त केल्यात. 'धी नवहिंद टायमस' ह्या दिसाळ्या वयलें चंद्रकांत केणींचें 'Goa and Goans' आनी 'What Goa need?' हें सदर खूब वर्सा मेरेन चलत रावलें. हातूंत तांणी राजकी, सामाजीक, सांस्कृतीक, इतिहासीक, धर्मीक तशेंच प्रादेशीक, राष्ट्रीय सारके विशय हातळ्यांत. तशेंच Goa today हे पत्राकारितेंत लेगीत ते बरयताले. ह्या कांय वेंचीक लेखन स्वरुपांत 'Goa and Goans' हें पुस्तक तयार जालां.

कथाकार चंद्रकांत केणी हे सारस्वत हे संस्थचे वांगडी आसले. सारस्वत सामाजाची जियेवपाची तरा आनी पद्दत हांचेर उजवाड घालपी पुस्तकां म्हळ्यार 'The Sarawats

inside Goa And Beyond' आनी 'The Sarawats (a compilation of facts and document from various source).

तशेंच ताचो एक सुंदर असो लेख 'Goa - Aparanta - land beyond the end ह्या पुस्तकांत आसा. लेखाचे नांव आसा 'Goa identity and disapora', ह्या लेखाच्यो पयल्यो वळी पुराय लेख वाचपाक प्रेरीत करतात, त्यो अशो आसात, *The moment we speak of "Goa identity some people raise their eyebrows and ask, what exactly do you mean by identity? Is there a Goan identity that is district from all others? Or is it a myth?*[30]

कथाकार चंद्रकांत केणी जिवीत भर साहित्य रचना करीत रावले, तशेंच ताचें जायतें साहित्य आयज मेरेन पत्रकारितेंत आसा. जें पुस्तकांत संग्रहीत जावंक ना. चंद्रकांत केणी केन्नाच निवृत्त जाले नात. तांची कार्य करपाची तांक मरसर उरली. तांचे साहित्य साधने विशीं सांगता आसतना प्रियदर्शनी तडकोडकार म्हणटात, "पत्रकाराचो पिंड आनी वेवसाय आशिल्ले केणी 'धर्तरी अजून जियेताली' सावन 'जंय वतां थंय' मेरेन पांच कथाझेले, 'एकलो एकसुरो' सावन 'बर्मी दीस' मेरेनच्यो पांच नवलिका, 'बिम्बां पडबिंबां', 'आपालिपा' सारके ललित लेखांचे दोन झेले, 'कथिका' सारके साहित्य प्रकार आनी वेगळ्या वेगळ्या साहित्य प्रकारांचीं पांच संपादीत पुस्तकां आपल्या नांवाचेर दवरून आसात."[31]

कथाकार चंद्रकांत केणी विशीं उलयता आसतना डॉ. मनोहराय सरदेसाय म्हणटात, "एक बरो बरोवपी एका बऱ्या रांदप्या सारको आसता, कमींत कमी सामग्री वापरून एक बरो पदार्थ तयार करता, चंद्रकांत केणी हो असो एक बरोवपी आसा."[32]

## निश्कर्शः

निश्कर्श स्वरूपांत अशें म्हणपाक जाता की चंद्रकांत केणींनी एकाच वांगडा विंगड विंगड साहित्य प्रकारांचें सृजन करता आसतन आपले बहुमुखी प्रतिभेची वळख आमकां करून दिल्या. तांणी आपल्या अनुभावांचो आदार घेवन आपलें साहित्य निर्माण केलां. घरांत साहित्यीक वातावरण नासतना तांणी साहित्यीक साधनेची सुरूवात केली. ताचें वाचन खूब

आसलें जाका लागून भारतीय आनी पाश्चत्य साहित्य तांणी वाचिल्लें. भोवभाशीक चंद्रकांत केणी हे भौभाशीक साहित्यीक लेगीत आसात. देशी विदेशी भासांतल्या साहित्यांत कथे वांगडाच हेर साहित्य अणकार करून कोंकणींत हाडलां. कोंकणी कथा साहित्याक दिल्ल्या योगदानाक लागून कोंकणी साहित्य व्यापक जालां.

***

**संदर्भ.**


1. …… Goa today. March 2009. पान क्र. 25 लेखः Man with roots and wing: Naik, Datta D. 2009.
2. केणी, चंद्रकांत. साहित्य-स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पान क्र. 71.
3. तत्रैव; पान क्र. 5.
4. …… कोंकणी टायम्स. दिवाळी अंक 2001. पान क्र. 9. लेखः म्हजी साहित्य साधनाः केणी, चंद्रकांत.
5. Goa Today. January, 1989. पान क्र. 32. Interview of Chandrakant Keni by Naik, Vinayak.
6. …… कुळागर. मार्च 1986. पान क्र. 15. लेखः लक्ष्मणरावांच्यो कांय यादीः केणी, चंद्रकांत.
7. …… जाग. जानेवरी 1999. पान क्र. 21. लेखः म्हाका कोंकणी दिक्षा कोणें दिली?: केणी, चंद्रकांत.
8. …… Goa Today. January 2007. पान क्र. 11-12. लेखः Dreams Fulfilled: Keni, Chandrakant.
9. …… जाग. दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान क्र. 19. लेख: चंद्रकांत केणी: जिवीत आनी कार्य: नायक, प्रकाश.
10. …… कोंकणी चवथ अंक, 2009. पान क्र. 23. लेखः कथाकांतः मावजो, दामोदर.
11. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 18. लेखः चंद्रकांत केणी ……… एक जिवीतयात्राः सर्गेस्त डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय.
12. केणी, चंद्रकांत. साहित्य-स्वाध्याय, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996 पान क्र. 86.
13. Dr. SarDessai, ManoharRai. A History of Konkani literature. Sahitya Akademi, New-Delhi; 2000. पान क्र. 187.
14. केणी, चंद्रकांत. साहित्य-स्वाध्याय, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पान क्र. 5.
15. …… कुळागर, डिसेंबर, 1985. पान क्र. 11. लेखः कोंकणी कथासंग्रहः सोंदे, नागेश.
16. केणी, चंद्रकांत. इंग्लीश कोंकणी हिन्दी उतरावळ. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 2003. पान क्र. प्रस्तावना.

17. केणी, चंद्रकांत, कथा भारती, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2006. पान क्र. 5.

18. …… जाग. दिवाळी नातलां अंक 2009. पान क्र. 15. लेखः भोवप्रसवी साहित्यकारः मावजो, दामोदर.

19. तत्रैव; पान क्र. 1. (संपादपी).

20. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान क्र. प्रस्तावना.

21. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान क्र. 5.

22. केणी, चंद्रकांत. तरेतरेचीं सवंगां, सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1973. पान क्र. प्रस्तावना.

23. केणी, चंद्रकांत. साहित्य- स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पान क्र. 5.

24. …… जाग. डिसेंबर 1997. पान क्र. 22. लेखः साहित्य नियाळ 'साहित्य-स्वाध्याय' ?ः तडकोडकार, प्रियदर्शनी.

25. …… कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. 29. लेखः 'गोंय आनी गोंयकार'. …..ः डॉ. नागवेंकार, हरिशचंद्र.

26. केणी, चंद्रकांत. फुलाचो हात. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1972. पान क्र. प्रस्तावना.

27. केणी, चंद्रकांत. रातभर पावस. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पान क्र. प्रस्तावना.

28. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 28. लेखः कांदबऱ्यांचो सको हुबोवपी कांदबरीकारः मावजो, दामोदर.

29. …… कुळागर, जानेवारी 1984. पान क्र. 6.

30. Ribero, Victor Rangel. (संपादक). Goa - *Aparanta - land beyond the end*. Vasco-da-Gama; publication private limited, Goa-india; 2008. पान क्र. 200.

31. …… जाग. डिसेंबर 1997. पान क्र. 24. लेखः साहित्य नियाळ 'साहित्य-स्वाध्याय' ?ः तडकोडकार, प्रियदर्शनी.

32. Dr. SarDessai, ManoharRai. A History of Konkani Literature. Sahitya Akademi New-Dehli; पान क्र. 189.

## 2. चंद्रकांत केणी - युगीन परिवेश.

**2.1. त्या काळाची सामाजीक, राजकी आनी आर्थीक परिस्थिती.**

**2.2. युगीन परिवेशा अंतर्गत भोंवतण, वातावरण, परिस्थिती हांचो प्रभाव.**

**2.3. चंद्रकांत केणींचे कथेंत पडबिंबीत जावपी गोंय.**

## 2.1. त्या काळाची सामाजीक, राजकी आनी आर्थीक परिस्थिती.

ज्या सामाजांत साहित्यकार व्यक्ती म्हूण जल्मता, वाडटा आनी वावुरता त्या व्यक्तीची जडण घडण तितल्या पुरती मर्यादीत आसना. पूण त्या काळांत जो सामाजीक, आर्थीक आनी राजकी बदल घडटा, जाका लागून त्या राज्यांत, समाजांत आनी आर्थीक परिस्थितींत रावपी लोकांचेर जाता. साहित्यकार वा बरोवपी म्हूण ताजेर लेगीत हो परिणाम जाता. देखून बाह्यरंगांत आनी अंतरंगांत जो व्यक्त जाता तो त्या व्याक्तीचे थारोवपाक पावतात. दर दिसा सामाजांत, राजकारणांत आनी आर्थिक स्थितींत जो बदल घडटा, तातूंत कितल्यो नव्यो क्रांती, नवी सामाजीक व्यवस्था घडटा, जाची गवाय इतिहास दिता. तशेंच त्या काळा वयले सामाजीक, राजकी, आर्थीक परिस्थितींत जी व्यक्ती रावता तिचेर ह्या सगळ्यांचो परिणाम जाता. हे विशीं डॉ. धर्मध्वज त्रिपाठी म्हणटात, “मनीस ज्या समाजांत, परिवेशांत आनी वातावरणांत रावता, ताचो प्रभाव ताजेर निश्चीत रुपान पडटा. ह्या प्रभावाक लागून ताचें व्यक्तितत्व आनी ताचे कार्यपद्दतींत सृजन तशेंच निर्धारण येता”.[1]

William Henry Hudson हो अशें म्हणटात, “as we pass from individual book to their author, so by an equally naturally transition we pass from individual author to the age in which he lived, and the nation to which he belonged”.[2] म्हणजे जेन्ना आमी एकाद्रया साहित्याकाराची कृती वाचता तेन्ना आमी सहजपणान त्या साहित्याकाराचे कृतितल्यांत तो जियेतल्या काळांत पावता, आनी ज्या वाठारांत आनी राष्ट्रांत तो रावता थंय लेगीत पावता. देखून एकाद्र्या साहित्यकाराचो अभ्यास करता आसतना, तो साहित्यकार जे परिस्थितींत जियेला ते परिस्थितींत अभ्यास करपाक म्हत्वपूर्ण थारता.

कथाकार चंद्रकांत केणींचो जल्म गोंयांत जालो आनी तांचे सगळें भुरगेपण हांगा गेलें. तांचेर सगळें संस्कार गोंयांत जाले त्या काळार गोंयची राजकी, आर्थीक, सामाजीक परिस्थिती कशी आसली, आनी हे परिस्थितीचो तांच्या व्यक्तितत्वाचेर कसलो परिणाम जालो हो अभ्यास म्हत्वपूर्ण थारता. ते तरेन, त्या काळाची परिस्थिती इतिहासीक नदरेक म्हत्वपूर्ण थारता.

## सामाजीक परिस्थिती.

साहित्य हो सृजनात्मक प्रकार आनी ही सृजनात्मक कृती आपले आपूण निर्माण जायना, ही साहित्यकाराचे सामाजीक परिस्थितींत निर्माण जाता.[3]

"साहित्य म्हळ्या जिविताचो हारसो. साहित्यांत समाजाचें रूप दिश्टी पडटा तशी साहित्यकाराची जिविता विशींची नदरूय उकती जाता." अशें डॉ. माधवी सरदेसाय म्हणटात.[4] साहित्यकार हो एक व्यक्ती म्हूण समाजाचो एक घटक आसता. देखून ज्या सामाजी, आर्थीक आनी राजकी परिस्थितीचो जो अणभव एकाद्रो साहित्यकार अणभवता, तशेंच ताचें त्या सामाजांतल्या सामाजीक वर्गा कडेन आनी सामाजीक संघटने कडेन प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष नातें आसता, ह्या सगळ्या परिस्थितींतल्यान तो प्रेरीत जावन जिणे कडेन पळोवपाचो दृश्टीकोण तयार करता. आनी हो दृश्दीकोण तयार करपाक समाज एके वटेन ताका मदत करता.

हाका लागून एकद्र्या साहित्यकाराच्या साहित्याचे मुल्यांकन करता आसतना, त्या साहित्यकाराचो समाज जातूंत तो जियलो आनी ते सामाजीक परिस्थितीचो अभ्यास करप म्हत्वाचें थारता.

कथाकार चंद्रकांत केणी हांचो जल्म 26 नोव्हेंबर 1934 ह्या वर्सा जालो. ह्या काळांत गोंयांत पुर्तगेझ राजवट चलताली. कथाकार चंद्रकांत केणींचें मूळ घर मडगांवांत आसलें पूण आज्यान (श्री पांडुरंग केणी) वेपारा खातीर कांसावले बिराड किल्लें. कांसावले हो मुरगांव तालुक्यांतल्यो दर्यावेळे वयलो गांव. आनी मुरगांव हें तेन्ना पुर्तुगेझांचें मुखेल बंदर आसलें.

कांसावले हो सैमाच्या अप्रूप सौंदर्यान नटिल्लो गोंयचो एक गांव. कांसावलेचें वर्णन करता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "पणजेसावन मडगांवचें दिशेन वतल्या सतरा नंबरच्या राष्ट्रीय म्हामार्गाचेर वेर्णं पठाराचेर पावना फुडें उजव्या हाताक दाटीवाटीन आशिल्ल्या दोंगुल्ल्यांकडेन नदर गेले बगर रावना. वेळ सकाळचो आसूं वा रखरखत्या दनपाराचो आसूं ना जाल्यार सुर्यास्ताचो आसूं, वेर्णाच्या उकत्या पठाराचेर चारूय दिकांनी

व्हांवतलो मेकळो शितळ वारो सुखदिणो आसता. पूण नदरेक सुखावपाचें दृश्य म्हणल्यार दोंगुल्लेवयलें धव्या वण्टीचें कपेलच म्हणूंक जाय. हेंच तें रेमेत सायबिणीचें कपेल".[5]

पुर्तुगेझांनी जेन्ना गोंय जिखलें तेन्ना तांची गोंयांत येवपाची मुखेल अशी दोन कारणां आसली - 'पयलें म्हणल्यार मसाल्याचो वेपार वाडोवपा खातीर एक ठिकाण जाय आसलें आनी दुसरे म्हणल्यार धार्मीक प्रचार' अशें मत डॉ. प्रोफेसर ओलिवीञ्यु गोमिश दितात.[6]

पुर्तुगेझ राजवटी खाला गोंयांत धर्मीक, आर्थीक, राजकी तशेंच सामाजीक आनी सांस्कृतीक जिणेंत खूब बदल करून हाडलो. पुर्तगेझ गोंयांत आयले तेन्ना गोंयची सामाजीक वेवस्था आनी सामाजीक बादांवळ ही येवरोपी देशां पसून वेगळी आसली. देखून पुर्तुगेझांनी गोंयचे सामाजीक बादावळींत बदल हाडून तो पुर्तुगेझा वरी समाज घडोवपाचें कार्य पार पाडलें. गोंयचे सामाजीक जिणेचेर कांय नेम जे पुर्तुगेझांनी घातले ते पुर्तुगेझांच्या सामाजीक बादांवळीतले आसले, जे गोंयचे लोक मानपा सारके नासले.[7]

पुर्तुगेझांनी गोंयच्या सामाजीक जिणेचो बदल करून हाडलो, तो बदल कांसावले गांवांत लेगीत दिसपा सारको आसलो. जाका लागून कांसावले गांवांत एक वेगळे तरेचो समाजीक इतिहास रचलो. कथाकार चंद्रकांत केणींचें सगळें भुरगेपण कांसावले गांवांत सरलें. हे विशीं डॉ. मनोहराय सरदेसाय म्हणटात, "चंद्रकांतालें भुरगेपण कांसावलेच्या माडांचे सांवळेंत आनी रुप्याचे दर्यावेळेर गेलें".[8] संवसाराची पयली वळख आनी जिणेंतलो पयलो संस्कार कथाकार चंद्रकांत केणींनी ह्या गांवाच्या वाठारांत घेतलो.

"पुर्तुगेझ जेन्ना गोंयांत आयले, तेन्ना ताणी एका हातांत खुरीस आनी दुसऱ्या हातांत तरसाद धरिल्ली. तांकां गोंयचेर निखटे राज्य चलोवपाचें नासलें. तर पुराय भारत देशांत आपलो धर्म आनी संस्कृती पातळावपाची आसली", अशे विचार चंद्रकांत केणी पुर्तुगेझ गोंयांत येवपाक कारण सांगता आसतना दितात.[9]

गोंयची सामाजीक जीण पुर्विल्ल्या काळा सावन संथ आनी धादोशी आसली. हे संथ जिणेंत पयलो वयलो खंड पडलो तो म्हणल्यार सोळाव्या शेंकड्याच्या आरंभाक. पुर्तुगेझांनी गोंय जिखलें आनी गोंय जिखना फुडें तांणी क्रिस्ती धर्माचो प्रचार गोंयच्या समाजांत केलो.

ह्या धर्मप्रचारा खाला गोंयांत तरेकवार फर्मान काडलीं आनी गोंयच्या समाजाचेर घाय केले. तेदे वेळा वयली दुर्दैवाची गजाल म्हणल्यार हिंदू समाजांतल्यो सवळेपणाच्यो आनी स्पृश्य-अस्पृश्यतायेच्यो कडक संकल्पना आसल्यो. ताका लागून त्या वेळार हिंदू समाज पुर्तुगेझांच्या जुलुमाचे आनी छळ-कपटाचे सहजपणान भकीक पडले. तातूंत तांच्यांनी बाटून क्रिस्तांव करपाची पद्दत आपणायली. एक फावट बाटलो तो सासणा खातीर बाटलो अशें ते सांगपाक लागले. तातूंत जायते फावटी कोणाल्या घराचेर उंडो उडयलो म्हणून ते घर बाटलें, बांयत कितें तरी पडलें आनी ते बांयचे उदक पिले म्हणून सगळो गांव बाटलो. एकद्या वाड्यार हाड उडयलें तें खरें कांय फट हें पळय नासतना, पुराय गांव-वाडो बाटलो. अशें चिंतून गांवाचे बाटून क्रिस्तांव जाले. आनी दुसऱ्या गांवांतल्या लोकांनी तें बाटके अशें म्हणून त्या लोकांक धर्मा भायर केले. आशे तरेन गोंयचे समाजीक जिणेंत एक तरेची उचांबळाटाय उप्रासली.[10] अशे रितीन गोंयचे हिंदू लोक बाटोवन किस्तांव जाले, तेच तरेन कांसावलेंचे लोक क्रिस्तांव जाले.

कांसावले गांवाची रचणूक अशें तरेन आसली, कांसावले गांवाच्या लागीं आनी चार गांव आसात, ते म्हणल्यार वेळसांव, आरशी, पाळी, कुळेली. हे पांच गांव मेळून एक वाठार जाता. (कुवेली - ह्या गांवाचे उदेंतेक आशिल्ल्या दोंगराक रेमेतीचो दोंगर अशें म्हणटात). सोळाव्या शेंकडयाच्या आरंभाक पुर्तुगेझ गोंयांत आयले तेन्ना तांणी कांसावेलेची सामाजीक जीण धवळून उडोवपाचे उपक्रम हातांतक घेतलो. तेन्ना तांच्यानी देवळां मोडून इगर्जो बांदल्यो. तेन्ना कांसावले खूब देवळां आसली ती मोडून इगर्जो आनी कपेलां बांदलीं. तातूंत कांसावले नागनाथ, सांतेरी, पुरूष, वजनेश्वर, महादेव, सांतेरी, ग्रामपुरूष, वैजारी, भोगेश्वर (भोगेश्वराचें देवूळ फोंड, तळावले गांवांत आसा), ग्रामपुरूष - वेताळ, आनी सप्तमातृका हांचीं वेगळीं देवळां आसलीं.[11]

ताका लागून चंद्रकांत केणींक तांच्या भुरगेपणांत कांसावले तांकां एकूय देवळ दिश्टी पडलें ना अशीं खंत ते उकतायतात. हांगा देवूळ नासलें पूण एकूच इगर्ज आसली देखून क्रिस्तांव समाजा वांगडा हिंदू समाजाक ती आपली अशी दिसताली, आनी हांगा हिंदू क्रिस्तांव समाजांतलो एकचार दिसून येतालो. चंद्रकांत केणी हांगा अशें म्हणटात, “आयज

ह्या इतिहासाचे घाये पेखिल्ले आसले तरी त्या घायांच्यो मावो तशोच उरल्यात आनी तातुंतूच एक गजाल दिसून येता की विदेशी राजकर्त्यांनी आनी धर्मकुड्ड्यांनी शस्त्रांच्या बळाचेर, दंडाच्या धाकार गोंयचो समाज विखंडीत करपाचो यत्न केल्लो आसलो तरी जाणटेल्यांच्या गिरेस्त दायजाचे आमी दायजी ही भावना गोंयच्या समाजाच्या दर एका घटकाच्या मनांत थीर रुजिल्ली आसा. देखुनूच किरिस्तांव जरी इगर्जेंत गेलो आनी क्रिस्ती धर्माच्या आचार विचारांक ताणें पाळो दिलो, तरी हिंदूंची देव-देवळां हीं आपल्या पुर्वजांचीं ही भावना तांच्या मनांत सदांच उरता. केन्ना केन्नाय आमकां असो चमत्कार पळोवंक मेळटा की आमचे किरिस्तांव भाव पुजा प्रसादा खातीर तितलेच भक्तीन देवाळांनी वतात आनी तांचे हिंदू भाव तितलेच श्रध्देन इगर्जांनी वचून देवाक होरायतात. अशे तरेन हिंदू आनी किरिस्तांव ह्या दोन धर्मांक जोडपी साबार देवळां आनी इगर्जो गोंयांत आसात. ताचे मदलेंच कांसावले गांवचें दोंगरा मथ्या वयलें रेमेत सायबिणीचें कपेल".[12]

तशेंच तेन्ना कांसावले खंयच्याय वाड्यांत वचून पळेयले जाल्यार तेन्ना 5% क्रिस्तांव वस्ती आसली आनी उरली हिंदू वस्ती आसली (हें चित्र सगळ्या वाड्यार पळोवपाक मेळटलें). क्रिस्तांव वस्ती हिंदूंच्यो भावना वळखून तांच्या वेव्हरांत कसलीच अडचण येवपाक दिनासली. सामान्याचीं सूख-दुख्खां, मनाचो घुस्मटमार मेकळो करतालो जाल्यार हांगा हिंदूंक देवळां नासलीं, आसली ती एकूच इगर्ज. ताका लागून क्रिस्तांव सामाजांतले भुरगे संघटीत जावन सार्वजनीक कार्यांचें आयोजन करून, फेस्तां, इत्रुजां दबाजे घडोवन हाडटाले आनी मुजरत हिंदू भुरग्यांक तातूंत वांटो घेवपाक आफयताले. केन्ना कोणें अविचारी मनशान तें कोंकणे (हिंदू) म्हूण भेंकडायले जाल्यार उरिल्ले सगळे क्रिस्तांव भाव ताका मारूक धांवताले. असो धर्मीक एकचार अजून गोंयांत पळोवपाक मेळटा. अशे तरेन कांसावले गांवाचो लोक (हिंदू आनी क्रिस्तांव) दोनाय धर्मांचे लोक एकचारान रावताले. देखून कपेल हें क्रिस्ती धर्माच्या लोकांचे देवघर अशें आसले तरूय कांसावलेचे पंचक्रोशींत रावतल्या हिंदूंक ती सायबिण आपली दिसता. ह्या हिंदू आनी क्रिस्तांव एकवठा संबदांन एके घटनणुकेचो उल्लेख चंद्रकांत केणी करतात, 'जानेवरी म्हयन्यांत जें कांसावलेचें रेमेत सायबिणीचें फेस्त जाता त्या फेस्ताच्या आदल्या दिसाचे सांजेक जर गांवाचो हिंदू लोक

सायबिणी मुखार मेणवाती पेटयना जाल्यार दुसऱ्या दिसा फेस्ताक शोभा येना. हिंदू आनी क्रिस्तांव एकचाराचो म्हज्या बाल मनाचेर श्रध्देचो एक छाप पडलो’.[13]

पुर्तुगेझांनी गोंयच्या विकासा खातीर व्हडली काय तडजोड केलिना. लोकांचे येरादारीचें रस्ते हें मुखेल साधन आसलें. पूण पुर्तगेझांनी रस्ते बांदपाक कांय व्हड प्रयत्न केलो ना. गोंयांत चडशे रस्ते मातयेचे आसले पूण कांय मुखेल रस्ते दामरायले. “मांडवी - जुवारी सारक्या न्हंयांचेर पूल बांदप तांकां शक्य जालें ना. आर्विल्ल्या रुपांतल्यो बशी येवचे पयलीं, थरावीक रस्त्यांचेर ज्यो ‘कार्रेरी’ वा ‘कामिन्यांव’ चलताले. ते वचपापुरतेच रस्ते केले. असले नांव घेवपासारके रस्ते म्हणल्यार गोंयांतल्या इकरा तालुक्यांक आनी कांय म्हत्वाच्या गांवांक जोडपी रस्ते. हातंले तालुक्यांक जोडपी रस्ते दामरी जाले ते 1945 नंतर ...”, अशें नागेश करमली सांगतात.[14]

कांसावले गांव हो मुरगांवांत आसा, तशेंच मुरगांव हें गोंयचें मुखेल बंदर जावन आसा देखून हेर सामाजीक विकासाच्यो जायत्यो गजाली हांगा जाल्यो.

गोंयांत पुर्तुगेझांनी सामाजीक जिणेंत कांय बदल करून हाडले, तातूंत गोंयांत समान नागरीक कायदो चालीक लायलो. तशेंच आंतेर, काजू, अनस, तारवटी मिरसांग, उंडे, बिबीक, दुदी, दुकराचें मास, कार्नीवल आनी फेस्तां सारक्यो गजाली तांच्यानी गोंयांत हाडून, गोंयची समाजीक बांदावळ घट केली.

गोंयांत सती पध्दतीचेर बंदी हाडपाचें कार्य पुर्तुगेझांनी केलें. ते भायर बायलांक आस्पतीच्या वाट्याचो हक्क, विधवांचीं लग्नां पूण जातीचो प्रस्न सोडोवंक मात तांकां अपेस आयलें.[15]

जेन्ना तांच्यानी समान नागरीक कायदो लागू केलो, तेन्ना हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव लोकांक एका थराचेर हाडले. तशेंच गोंयचे अस्तुरेक समान स्थान दिलें. पूण तो समाजांत लागू जालो कांय ना हो विचार करपा सारको प्रश्न आसलो. गोंयांत कांय लोकांक ह्या कायद्या विशीं खबर लेगीत नासली. इतलेंच न्हय तर समान कायद्याखाला आप स्वत्तंत्रताय [freedom of individual liberty] आनी अभिव्यक्ती मेकळेपण [freedom of expression] लेगीत नासलें.[16]

कांसावले गांवांत बायलांची परिस्थिती कशी आसली हाचेर चंद्रकांत केणी एका लेखांत ‘अंता’च्या (कांसावले गांवांतली एक व्यक्ती) तोंडांतल्यात सांगतात ती अशी, लीलू (अंताची चली) आपले आवय भशेनूच अक्षरशत्रू, चलयेन शिकून कितें करचें पडलां? घर संवसार चलयतली जाल्यार रांदूंक-उमळूंक बरें येवपाक जाय ही अंताची विचारसणी आसली. तशेंच तो म्हणटा, चली शिकली जाल्यार पारपोळ जाता. देखून लीलू शिकनासताना ताचे आवय भशेन ल्हान पिराये सावन आवयलीं कामां करतालें. ते भायर गांवांत स्मगलिंग कशें जातालें हाजें चित्र आमकां कांसावले गांवांत दिसता. चंद्रकांत केणी ह्या लेखांत बरयतात. भायल्या देशांतल्यान भांगराच्यो लगड्यो हाडटात आनी त्यो गोंयचे शिमे भायर पावयतात. तशें केल्यार दुप्पटीन तिप्पटीन फायदो जाता. ते काम करपी टोळयेंत अंता सामील जालो.[17]

तशेंच गोंयचे शिक्षण पद्दतींत पुर्तुगेझांनी सुदार केलो. तातूंत मुळावें शिक्षण हें पुर्तुगेझ भाशेंतल्यान घेवचें पडटालें. तशेंच शिक्षणा खातीर कांय शिक्षणवृती आनी शिक्षण सवलती गोंयच्या भुरग्यांक पुर्तुगेझ सरकारान सुरू केल्यो. ह्या संबदान चंद्रकांत केणी सांगतात, “*In the good old days, when Goa was under the Portuguese rule, education facilities were limited and one had to learn Portuguese to persue higher education in English.*”[18]

गोंयांत त्या काळार भाटकार आनी मुंडकार पद्दत आसली. हे पद्दती विशीं उलयता आसतना डॉ. तानाजी हळर्णकार सांगतात, “स्वातंत्र्यपूर्व गोंयांतली भाटकारशाय नेमकी कसले तरेची आसली हाची नीट कल्पना येता आसली, तरी कांय अदमास करूं येतात. सगळ्याच काळांतली आनी सगळ्याच राष्ट्रांतली भाटकारशाय ही हुकूमशायच आसली. गोंयची भाटकारशाय ताका आडवाद आसप शक्य ना. भाटकारांची म्हणचे परस, हुकूमशाय ही भाटकारशायेची प्रवृत्ती म्हणूंक जाय”.[19]

त्या काळांत कांसावले गांवांत हेर गांवां भशेन समाजांत भाटकार मुंडकार पद्दत चलताली. भाटकार हो जमनीचो वा शेताचो धनी आनी जो भाटकाराचें शेत कसता वा भाटांत रावता तो त्या भाटाचो मुंडकार. तशेंच भाटकार आनी मुंडकार नातें कांसवले कशें

आसलें हाचेर चंद्रकांत केणी अशें म्हणटात, “त्या वेळार परिस्थिती वेगळी आसली. अंता नवें घर बांदता म्हूण भाटकारान विरोध केलो ना, उरफाटो आधारच दिलो”.[20] तशेंच दुसऱ्यांच्या अडी-अडचणींनी गांवचो लोक एकमेकाक पावतालो.

गोंयांत पुर्तुगेझ शासना खाला कायदो सारको कडक आसलो. गोंयचे लोक घर-दार उकतें घालून भोंवताले आनी न्हिदताले. चोरी जाय नासली. तशेंच एकादरें नवें घर बांदपाक कामरा कडल्यान लायसन्स काडचें पडटालें. पुर्तुगेझ जेन्ना गोंयांत आयले तेन्ना गोंयांत रासवळ कुटुंबां आसलीं. पुर्तुगेझांनी ल्हान कुटुंबांचीं तत्वां गोंयच्या लोकांक समजावन दिलीं. तशे भारतीय न्हेसपाचे पद्दतींत बदल हाडून गोंयच्या लोकांक पाश्चात्य न्हेसणां दिलीं. गोंयच्या दादल्यां-बायलांक अस्तंती रितीचे नाच शिकयले.[21]

आमचें गोंय हें संवसारांत नामना फावो जाल्ले सुंदर राज्य. गोंयच्या राजकी इतिहासाक एक आगळी वेगळी बसका आसा. हांगा कितल्याश्याच जाणांनी आपलो शेक चलयलो हाची गवाय मेळटा. जाका लागून त्या सगळ्यांचो प्रभाव गोंयचे समाजीक जिणेचेर पडला.

## त्या काळाची राजकी परिस्थिती.

आमचें गोंय संवसाराक सदांच ओडलायणें दिसता. हाका लागून गोंयाचेर जायत्या जाणांच्यो घुरयो पडल्यो, कितल्याश्याच सत्ताधाऱ्यांनी आपलो शेक गाजयलो हाची गोंयचो लांबदीक इतिहास गवाय दिता. दक्षीण कोंकणांतले दर्यादेगेर गोंय शंबर एक मैलांचे लांबायेन आनी पन्नास एक मैलांचे चडांत चड रुंदायेन, एका त्रिकोणाच्या आकारांत पातळिल्लें दिसता. गोंयचे उत्तरे कडेन महाराष्ट्र आसा आनी दक्षिणे कडेन कर्नाटक. गोंयचे अस्तमतेक अरबी समुद्राची लांब रुंद दर्यादेग आसा. जाल्यार उदेंते वटेन सह्याद्री पर्वत वा अस्तमती घांट गोंय हेरां पसून वेगळें करता.

1510 वर्सा आल्बुकेर्कान गोंय म्हणजे तिसवाडी जुंवो जिखलो. बाकिचो म्हाल आदिलशाहा कडेन आसलो. उपरांत बार्देस आनी साश्टी (आयचो मुरगांव म्हाल धरून) 1543 वर्सा जिखले. 1543 वर्सा शिवाजीन पेडणे, दिवचल, सत्तरी, आदिलशाहा कडल्यान

जिखले. 1666 ह्या वर्सा शिवाजीन सैन्य धाडून अंत्रूज म्हालाचेर घुरी घाली. पूण आदिलशाहाक पुर्तुगेझांनी मजत केल्ल्यान शिवाजी अंत्रूज म्हाल जिखूंक पावलेना. सांगें, केपें, काणकोण हे भाग आदिलशाहा कडल्यान सौंदेकारा कडेन पावले. उरिल्ले भाग पुर्तुगेझ सरकाराच्या ताब्यांत गेले. उपरांत ल्हव ल्हव करून पुर्तुगेझ सरकारान पुराय गोंय जिखून गोंयाक आपल्या पुर्तुगेझ राज्याक जोडलें.[22]

पुर्तुगेझ गोंयांत येवपा फाटल्यान दोन मुखेल कारणां आसलीं. पयलें म्हणल्यार मसाल्याचो वेपार करपा खातीर तांकां दर्यावेळे वयल्या प्रदेशांत एक सुवात जाय आसली, तर दुसरें क्रिस्ती धर्माचो प्रचार करपाक ते भायर सरिल्ले. पूण गोंय जिखले उपरांत पुर्तुगेझांनी 'ऍसिमिलेशन' ह्या तत्वाचेर भर दिली. ह्या संबंदान डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय सांगतात, "1950 वर्सा गोंय शार जिखून घेतल्या उपरांत तांणी आपलो धर्म, राजसत्ता आनी भास हांचो प्रसार करपाक सुरवात केली. तांणी गोंयांत 'ऍसिमिलेशन' करपाचें तत्व आपणायलें. गोंय हो पुर्तुगाली साम्राज्याचो वांटो अशें मानून गोंयांत मनान आनी तनान पुर्तुगेझ राज्यत्तेक विश्वासू अशे नागरीक निर्माण करपाचो वावर पुर्तुगेझांनी ह्या 'ऍसिमिलेशन' तत्वा खाला आपणायल्लो".[23]

जेन्ना पुर्तुगेझ गोंयांत आयले तेन्ना तांच्यानी गोंयची सामाजीक, आर्थीक, राजकी, धार्मीक आनी संस्कृतीक बांदावळ येवरोपी सामाजीक, आर्थीक, राजकी, धार्मीक आनी संस्कृतीक बांदावळी पसून वेगळी दिसली. देखून तांच्यानी नवे नवे कायदे काडले, जे गोंयच्या लोकांक मान्य करपाक त्रास जाले.[24]

तातूंत 1560 वर्सा गोंयांत 'इंक्विजीशन' म्हणल्यार धर्मसमिक्षण सभेची स्थापणूक जाली. आनी तेन्ना गोंयांत गोंयचे प्रजेच्या हाल उपेश्टांक शीम मेर उरली ना. गोंयचो राजकी कारभार पुर्तुगालाक सावन चलतालो, जे राजकी निर्णय पुर्तुगालाक जाताले तांकां गोंयचो प्रदेश आनी राजकी परिस्थिती हांचे विशीं कांयच जाण नासली.[25]

'इंक्विजीशन'च्या परिणामा विशीं उलयता आसतना डॉ. मनोहराय सरदेसाय अशें मत दितात, "'इंक्विजीशना'च्या खर कायद्याक लागून जायते हिंदू आनी किरिस्तांवूय गोंय

सोडून महाराष्ट्र, कार्नाटक आनी केरळ हांगा वचून थंयच स्थायीक जाले".[26] ह्या काळांत सोडून वचपी लोकांची संख्याच व्हड आसली म्हणपाक जाता.

पूण जो हिंदू समाजा गोंयांत उरिल्लो ताचे विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "पुर्तुगेझांच्या आक्रमणाक लागून हिंदू समाज आपली बदलपाची वृत्ती वगडावन बसलो. आपणे बदलपाचो यत्न केल्यार हातांत आशिल्लें सोडचें पडटलें ह्या भयान ताणें आपणाक परंपरेकडेन बांदून दवरलो".[27] जाका लागून हिंदू धर्म पुर्तुगेझ राजशाये खाला तग मारपाक पावलो.

अठराव्या-एकोणिसाव्या शेंकड्यांत गोंयांत आधुनिकीकरणाचें यूग आयलें. आनी राजकी मळार विस्तारीत जालें. तशेंच गोंयच्या बंदराक तारवां लागपाक सुरवात जाली. पूल बांदले आनी रस्ते दामरावन हाडले. ह्या काळांत गोंयांत रेल्वे आयली आनी रेल ब्रिटीशां खाला आशिल्ल्या भारताक जोडली. ह्या काळांत गोंयांत खबरापत्रां आनी नेमाळीं उजवाडाक येवंक सुरवात जाली.

1910 वर्सा पुर्तुगालाक राज्यशाय सोंपली आनी लोकराज थारलें. तेन्ना सगळ्या नागरिकांक, गोंयकारांक धरून समान नागरीक हक्क फावो जालो.[28] पूण राजकी आनी आर्थीक नदरेन फाटीं दवरले. तातूंत आधुनीक आप स्वतंत्रताय (modern individual liberty) आनी (freedom of expression) अभिव्यक्ती मेकळेपण[29] लेगीत नासलें. ताच्या उपरांत हुकूमशाय गाजोवंक दोतोर आंतोनियु ऑलिव्हेयर द सालाझार सत्तेर आयलो.

हे घडणुकेच्या पांच वर्सां उपरांत म्हणल्यार 1934 वर्सा चंद्रकांत केणींचो जल्म गोंयांत पुर्तुगेझ राजवटी खाला जालो. हें दशक संवसारांतलें खूब म्हत्वाचें अशें मानतात, कारण ह्या दसकाच्या निमण्या वर्सा म्हणल्यार 1 सप्टेंबर 1939 दिसा दुसरें म्हाझूज सुरू जावन नेटान चलपाक लागलें. ह्या म्हाझुजाचे परिणाम स्वरूप म्हणल्यार जायते देश जे गुलामपण भोगताले ते स्वतंत्र जावपाक लागले. तातूंत भारत देशान आपली स्वतंत्र चळवळ नेटान सुरू केली. भारतीय चळवळीचो राजकी परिणाम गोंयचे पुर्तुगेझ राजकी परिस्थितीचेर जावपाक लागलो. देखून पुर्तुगेझ राजकी कायदो चड कडक जालो आनी सगळीं राजकी सुत्रां पुर्तुगेझ सरकारान आपल्या हातांत घेतलीं.

तेन्ना गोंयची राजकी परिस्थिती अशी आसली, जायत्या वर्सां सावन गोंयांत सामान्य मनशांक मुळाव्यो सवलती मेळनासल्यो. गोंयांत खंयच एक जाहीर सभा घेवपाक मेळनासली. आनी कांय छापूंक मेळनासलें. तातूंत एकाद्रें लग्नाचें आमंत्रणपत्र लेगीत पुलिसेच्या परवानगे बगर छापूंक मेळनासलें. खबरांपत्रांचेर सॅन्सरशीप कायदो आसलो. भौशीक सभेचेर बंदी आसली. तशेंच वॉरंटा बगर धर-पकड चलताली आनी खटल्या बगर कोर्ट-मार्शला वरवीं चलयताले.[30]

असले हे राजकी परिस्थितींत चंद्रकांत केणींचो जल्म जालो आनी जातूंत गोंयांत उलोवपाक आनी बरोवपाक सॅन्सरशीप कायदो लागतालो, अशे परिस्थितींत चंद्रकांत केणींनी आपलें भुरगेपण गोंयांत सारलें.

गोंयचे स्वतंत्रतायेचे चळवळींत डॉ. त्रिस्तांव ब्रागांज कुन्य ह्या व्हड देशभक्तान आपल्या हातांत गोंय मुक्त करपाचें कार्य घेतलें, तो गांवान कांसावलेचो, कुवेली गांवचो. तांणी वकील वेंकटेशराव सरदेसाय हांकां वांगडा घेवन, 1930 वर्सा मुंबय गोंय काँग्रेस समिती संस्थापीत केली. ह्या काळांत नांवाजाते देशभक्त आनी पत्रकार लुइज द मिनेजीस ब्रागांज हांणी लोकांच्यो जाहीर सभा आपयल्यो आनी गोंयचे विधानसभेंत जंय ते वेंचून आयिल्ले थंय तांणी गोंयाक आप थारावणेचो (self-determination) हक्क आसा म्हणपाचो थराव मांडलो. पुर्तुगेझ सरकारान वसणुके कायदो (Acto-colonial) केल्लो, ताचे आड तांणी आपलीं आनी गोंयकारांचीं कडकडीत निवेदनां मांडलीं आनी मागीर तो कायदो पुर्तुगेझ सरकारान फाटीं घेतलो.

रवीन्द्र केळेकार हो एक गोंयचो सुटके झुजारी आसलो, हांच्या मता प्रमाण, “18 जून 1946 पसून 19 डिसेंबर 1961 मेरेनचो काळ हो गोंयच्या इतिहासांतलो सगल्यांत चड म्हत्वाचो काळ, सगल्यांत चड प्रेरक, सगल्यांत चड सृजनशील काळ आशिल्लो. पुर्तुगेझांच्या शेकांतल्यान गोंय मेकळें करचें म्हूण उमेदीच्या पिरायेच्या तरणाट्यांनी शिक्षण सोडून सुटके झुजाच्या होमखणांत उडी घेतिल्ली. कितल्याश्या दोतोरांनी दोतोरकी आनी वकिलांनी वकिली सोडून दिल्ली. कितल्याश्यांनी आपणालो घर-संवसार उबंत उडयलो. कितलेशे गोंया भायले जाले, कोण पांच-पांच, धा-धा वर्सांची बंदखण भोगपाक गेले तर

कोण अंगोलांतल्या काळख्या सॅलिटरी सॅलांत एकले बसून दीस मेजपाक लागले. कोण पुर्तुगालांत पिश्यांच्या ओश्पितालांत रावन बंदखणीची ख्यास्त भोगपाक लागले. कोण मरतां मरतां मेले तर कोण मार खावन मेले. सांगल्यार अजाप दिसतलें, धा-धा वर्सांचे पिरायेचे कांय भुरगे लेगीत ह्या होमखणांत उडी घेवन वर्सभर बंदखण भोगून आयल्यात.......”[31]

ह्या मता वयल्यान त्या काळांत गोंयची राजकी परिस्थिती कशी आसली हाजें चित्र दोळ्या मुखार येता. तशेंच 18 जून 1946 ते 19 डिसेंबर 1961 मेरेनचो काळ गोंयच्या राजकी इतिहासांतलो सगळ्यांत म्हत्वाचो काळ अशें म्हणपाक जाता. ह्या कालखण्डांत जायत्यो म्हत्वाच्यो राजकी घडणुको घडल्यो.

1946 वर्सा जुनांत डॉ. जुलयांव मिनेजीसाच्या घरांत डॉ. राम मनोहर लोहिया, हे व्हड समाजवादी फुडारी गोंयांत आयले. डॉ. राम मनोहर लोहियान गोंयची राजकी परिस्थिती पळयली आनी 18 जून 1946 ह्या दिसा तांणी मडगांवांत बंड केलें. तातूंत पुर्तुगेझ कायदो मोडून एके जाहीर सभेंत उलयलो. तेन्ना गोंयांत एक मोटो बोबाळ जालो. हे विशीं झोतिकु द सौज अशें म्हणटात, “ताचो आवाज गोंयाभायर गाजलो आनी तेच बरोबर लोकांच्या मनांत गोंयच्या स्वतंत्र्या विशीं जागृताय निर्माण जाली. त्या दिसा जी लोकांची चळवळ सुरू जाली ती गोंय स्वातंत्र जायसर, 19 डिसेंबर 1961 मेरेन चालूच उरली”.[32]

“डॉ. राम मनोहर लोहिया हे फकत एक राजकरणी नासले. ते विचारवंत राजकारणी आसले. तांणी मतां खातीर राजकारण केलें ना. सत्ते खातिरूय राजकारण केलें ना. तांणी आपणालें पुराय जिवीत तत्वांधारीत, मुल्यांधारीत राजकारणा पासत खर्चिलें”, अशें नागेश करमली डॉ. राम मनोहर लोहिया विशीं उलयता आसतना म्हणटात.[33]

डॉ. राम मनोहर लोहिया गोंयांत कसो पावलो आनी तांच्या कार्या विशीं उलयता आसतना डॉ माधवी सरदेसाय सांगतात, “1946तल्या जूनांत लोहियांची निकतीच दोन वर्सांचे बंदखणींतल्यान सुटका जाल्ली आनी ते डॉ. ज्युलियांव मिनेझीस ह्या आपणाल्या इश्टा वांगडा कांय दीस सारपाक म्हूण गोंयांत आयिल्ले. 1930च्या अदमासाक मिनेझीस आनी लोहिया जर्मनींत वांगडा शिकताले. लोहिया गोंयांत आसात आनी असोळण्यां मिनेझीसांगेर रावल्यात ही खबर ‘उ येराल्दां’त आयिल्ले एके ल्हानशे बातमे वयल्यान

गोंयभर जाली आनी गोंयच्या खांची कोनशंतल्यान लोक 1942तले क्रांतींतल्या ह्या हिरोक मेळपाक असोळण्यां मिनेझीसांगेर येवपाक लागले”.[34]

डॉ. राम मनोहर लोहिया जांणे मडगांव शारांत बंड केलें तेन्ना तांचे वांगडा दोतोर, जुलियांव मिनेजीस, लक्ष्मीदास बोरकार, पुरषोत्तम काकोडकर, दोतोर विनायक मयेंकर, निळकंठ कारापुरकार, विश्वनाथ लंवदो, पांडुरंग पुरषोत्तम शिरोडकार, वत्सला किर्तनी, प्रमिला जांबावलीकार आनी हेर जायत्या लोकांचो तेंको लाबलो.[35]

डॉ. राम मनोहर लोहियाचे प्रेरणेन 18 जून 1946 पसून सुरू जाल्ली गोंय मुक्ती चळवळ जी 19 डिसेंबर 1961 मेरेन उरली. हे चळवळीचो परिणाम कितें जालो हे विशीं रवीन्द्र केळेकार सांगतात, “गोंयकारांनी लोहियांत अशें कितें पळेलें म्हूण 1946तल्या 18 जूनाक फिरंग्यानी तांकां धरिना फुडें गोंयांत अवचीत एक मोड उठलें, झों झों करून वारें व्हांवपाक लागलें. व्हडले व्हडले म्हाल म्हातारे रूख आंग मोड सर धोलून घसांयच् करून हुमटून पडले ...... आनी, चारशें छत्तीस वर्सां पसूनचें आमचे संवकळीचें मेंगें, बाबत, भिवकुरें, सत्व नाशिल्लें गोंय एका खिणांत सांवरे बोंडांतलो कापूस जाल्ले वरी उबून गेलें? कित्याक लागून हजारांनी लोक त्या दिसा घरांतल्यान भायर सरून मेकळ्या ताळ्यान ‘जय हिंद’, ‘जय हिंद’ करीत मध्यान रात मेरेन मडागांव शारांत मोर्चे काडून भोंवत रावले”.[36]

मडगांव हांगा हायस्कुलांत शिकता आसतना 1946 वर्सा लोहिया मैदानाचेर जें गोंय मुक्तीचें बंड जालें ताचो आनी डॉ. राम मनोहर लोहियांच्यो प्रभाव चंद्रकांत केणींचे कवळे पिरायचेर जालो.[37]

ह्या काळांत पंडित जवाहरलाल नेहरू प्रधानमंत्री जावंक नासले पूण भारतीय स्वातंत्र्य चळवळींत एक मुखेल फुडारी आसले. तांणी 27 जुलय 1946 दिसा गोंया विशीं एक विधान म्हणिल्लें, “भारतांत जे मोटे प्रश्न उप्रासल्यात तशेच सुपुल्ल्या गोंयांतूय ताचे प्रस्न उप्रासल्यात. पूण गोंय भारताचे अस्तंत देगेवयलो एक धाकलो कुडको. ताका आमी दोळ्यांआड काडूंक जायना वा विसरूंक फावोना. जंय-जंय मनशाचे स्वातंत्र्याचो प्रस्न आसा आनी ताका लागून मनीस त्रास भोगतात तो प्रस्न ल्हान उरना. जंय स्वातंत्र्याक लागून

लोकांचेर अत्याचार जातात थंय लोक ताजे आड झुजतात. तो एक व्हडलो देखाव जाता जातूंत संवसारांतल्या स्वतंत्र मनाच्या मनशाची उत्सूकताय आसता. गोंय म्हळे उपरांत साबार आंतरराष्ट्रीय प्रस्न उप्रासतात जे थोड्याच काळाभितर वयर सरतले ....''[38]

उपरांत 15 ऑगस्ट 1947 वर्सा भारत देस स्वतंत्र गणतंत्र राज जाले. तेन्ना गोंय अजून पुर्तुगेझांच्या हातांत आसलें. ह्या काळांत चंद्रकांत केणी दिल्लीक आचार्य काकासाहेबांच्या 'सन्निधीं'त रावपाक गेले. सान्निधींत त्या वेळार चंद्रकांत केणी 'गोआ समाचार केन्द्र' चलयताले. हें 'गोआ समाचार केन्द्र' दिल्लीकारांचें गोंया कडेन नातें जोडपाचें कार्य करताले. त्या वेळार खासा आचार्य काकासाहेब गोंया विशीं कळवळटाले. 'गोआ समाचार केन्द्र' गोंयच्या प्रस्नाचेर राजकी फुडाऱ्यां कडेन प्रसार करपाचें काम करतालें. ह्या कार्याक लागून चंद्रकांत केणी आनी पंडित नेहरू मदीं एके तरेची इश्टागत जुळून आयिल्ली.[39]

चंद्रकांत केणींच्या गोंय मुक्ती वेळा वयल्या कार्या विशीं सांगता आसतना नागेश करमली म्हणटात, " .... चंद्रकांतबाबान गोंय मुक्ती वेळार चळवळींत प्रत्यक्ष रुपान भाग घेतालो ना जायत. पूण वेगवेगळ्या रुपांत तो ते चळवळीचे फाटभुंयेचेर वावुरलो...... दिल्लीक आसतना चंद्रकांतबाबान थंय एक 'गोवा इन्फर्मेशन सेंटर' सुरू केल्लें. गोंयची वळख दुसऱ्याक करून दिवप आनी वांगडाच पुर्तुगेझांच्या शेकातळाच्या गोंयांतल्या घडणुकांच्यो खबरो मेळोवन त्यो प्रसार माध्यमांमेरेन पावोवप हें काम हें सेंटर करतालें.''[40]

भारत स्वतंत्र जाले उपरांत गोंयांत ल्हान व्हड सत्याग्रह लोकांनी घडोवन हाडले आनी ते चिड्डून उडोवपाचें काम पुर्तुगेझ अधिकारी करताले. गोंयांत जी मुक्ती चळवळ चलताली ते भायर मुंबंय शारांत लेगीत ही चळवळ नेटान चलताली. तशेंच दिल्लीक, भारतीय संसदेंत खासदार आतऱ्या पयऱ्यान गोंयच्या फुडाऱ्यां विशीं सरकाराक प्रस्न विचारताले आनी प्रधानमंत्री पंडीत नेहरू जे विदेश खातें सांबाळटाले त्या प्रस्नाक जाप दिताना अशें सांगताले, भारत आनी पुर्तुगाला भितर मुत्सद्दी संबंद सुरू जातकीच गोंयच्या प्रस्नांचेर भासाभासो सुरू जातल्यो, भारत स्वतंत्र जावन सुमार तीन वर्सां म्हणल्यार 1949

वर्सा भारत आनी पुर्तुगाला मदीं मुत्सद्दी संबंद जावपाक लागले. तातूंत पुर्तुगेझ राजदूत दिल्लीक येवपाक लागले आनी भारतीय राजदूत लिश्बोआक वचपाक लागले.[41]

भारत सरकारान आपलो ‘आयद मेमुआर’ 27 फेब्रुवारी 1950 ह्या दिसा पुर्तुगेझ विदेश मंत्र्याक दिलो. तातूंत असो मुद्दो आसलो, भारतांतली पुर्तुगेझ वसणूक सोपोवन ते प्रांत भारतांत सामील करपाक जाय. पूण हें विशीं भारत आनी पुर्तुगांल हांचे मदीं बरे तरेन वा बरे भशेन उलोवणी करपाक राजी नासलो. तुमी जे प्रस्न सोडोवपाची सुचोवणी केल्या ती आपणाक मान्य ना अशी जाप पुर्तुगेझ सरकारान भारताक धाडली.[42]

हाचो परिणाम असो जालो, गोंयांत पुर्तुगेझ सरकार आपली राजवट अदीक कडकपणान चलोवपाक लागलें. तातूंत सरकारा आड कोणूय कारवायो वा बंड करपाक सोदीत जाल्या ताका धरून जुविजा मुखार व्हरनासताना एक ते तीन वर्सां मेरेन बंदखणीत दवरपाचो एक आदेश गोवर्नरान काडिल्लो. त्याच आदेशाचेर एक तजवीज केली, तातूंत जे राष्ट्रवादी बंदखण भोगून भायर आयिल्ले तांणी पुलीस खात्यांत वचून दर सप्तकांत आपूण खंय रावतां आनी खंय भोंवतां ताचे विशीं खबर दिवची पडटाली. आनी तातूंत कोणाकूय जर आपलो राबितो बदलूंक जाय आसलो जाल्यार सरकारी परवानगे बगर तो करपाक मेळनासलो. तातूंत खबरापत्रांचेर सॅन्सरशीप कायदो चडूच कडक केलो. ताचे परस सामुहीक उलोवपाचेर बंदी घातली आनी वॉरण्टा बगर धरप चलतालें. कोर्ट मार्शल कायदो पुर्तुगेझ सरकारान चालीक लायलो.

भारत सरकाराक (पं. नेहरू) आजून मेरेन एक आस्त आसली, काळ वता तसो तसो ह्या प्रस्नाची गंभिरताय पुर्तुगेझ सरकाराक कळटली आनी ह्या प्रस्नाचेर पुराय सहानुभूती दाखयतले. पूण ह्या ध्येयाचो आनी सहानुभुतीचो कांयच परिणाम जायना अशें भारत सरकाराक दिसपाक लागलें आनी ही असमाधानी परिस्थिती बेगोबेग सोंपोवक जाय ही मागणी आतां सगळे कडेन नेटान जावपाक लागली.

तेन्ना 1955 ते 1961 ह्या वर्सा मेरेन भारत सरकारान आर्थीक आडो घालो. पूण ह्या आर्थीक आड्याचो कांय फायदो जायना अशें जेन्ना भारत सरकाराक दिसपाक लागलें तेन्ना

भारत सरकाराक हो वाठार हक्कान आपले सुवादीन केले बगर दुसरो उपाय ना अशें दिसपाक लागलें. तेन्ना गोंय सुटकेचो प्रस्न आंतरष्ट्रीय पांवड्याचेर पाविल्लो. भारताचो प्रधानमंत्री जवाहरलाल नेहरू हांच्या राखणमंत्र्या खाला 'ऑपरेशन विजय' म्हणल्यार फौज धाडून हो प्रस्न सोडोवपाचो थाराव घेतलो.

डिसेंबराचे 17 ते 18 तारखेर रातची भारतीय लश्कर फौज गोंयांत भितर सरली. पुर्तुगेझ फौज कितेंय तरी प्रतिकार करतली अशें भारतीय झुजारी फौजेक दिसतालें. पूण खरें पळोवंक गेल्यार प्रतिकार करचे सुवातेर पुर्तुगेझ सोल्दाद पळापळ करूंक लागले. तांच्यानी मातूय प्रतिकार केलो ना. एक दोन कडेन मातसो प्रतिकार जालो तो फाटी सरता आसतना, वाटे वयले पूल आनी सांकव सुरींग घालून नश्ट केले. तशेंच केल्यार भारतीय फौजेक सोंपेपणी मुखार सरूंक मेळपाक ना अशें तांकां दिसतालें. पूण भारतीय फौज उत्तरेच्यान, उदेंतेच्यान आनी दक्षिणेंतल्यान गोंयांत भितर सरली ती विक्ट्री मार्च करीत चलत चलत पणजेंत पावली. 19 डिसेंबर 1961 दिसा पुर्तुगेझांच्या तावडेंतल्यान गोंयची सुटका केली आनी गोंय भारतीय गणतंत्राचो एक भाग जालो.

गोंय स्वतंत्र जालें त्या दिसा चंद्रकांत केणी दिल्लीक आसले. दिल्ली सावन 'गोआ समाचार केन्द्र' चलयताले, जें गोंयच्या राजकी प्रस्नांचेर उजवाड घालतालें. गोंय स्वतंत्र जाता हें कळटकूच चंद्रकांत केणींची कशी भावना आनी परिस्थिती आसली हाचेर ते म्हणटात, "डिसेंबराचो म्हयनो चैतन्य जागयत उदेल्लो. भारतीय लस्कर चारूय दिकांनी गोंयचे शिमेर एकठांय जाता अशो खबरो कानार येताल्यो. भारत सरकाराच्या परराष्ट्र मंत्रालयाकडेन म्हजो लागींचो संबंद आसलो. दिल्लींत हांव 'गोआ समाचार केन्द्र' चलयतालों आनी पंडीत नेहरूसयत भारताच्या फुडाऱ्यांक मेळटालों. ताका लागून वर्तमानपत्रांनी छापून येतात अशो खूबशो गजाली म्हाका कळटाल्यो. परराष्ट्र आनी संरक्षण मंत्रालयांतलें वातावरण उत्तेजीत जाल्लें. तरी दुबावी मन म्हणटालें, ही सगली मोहीम खऱ्यांनीच पुर्णत्वाक वचत? खऱ्यांनीच गोंय स्वतंत्र जायत? काय अंतरराष्ट्रीय दडपणाखाला काश्मिराभशेंन गोंयची परिस्थिती जायत? भारतीय लस्कर गोंयचे शिमेर पावलें तरी दुबावाचीं कुपां पयस जावंक नाशिल्लीं..... 19 डिसेंबराचे ते सकाळचें वर्णन

करप सोंपें न्हय. गोंय स्वतंत्र जाल्ल्याची बातमी वर्तमानपत्रांनी आनी रेडिओचेर आयली. दिल्लींत हांव जंय गोवा समाचार केन्द्र चलयतालों थंय आमचो बोर्ड आसलो. त्या दिसा राजघाटावेल्यान ह्या बोर्डाकडेन हजारांनी लोक जमिल्लो जांचो गोंयाकडेन तसो थेट संबंध कसलोच नासलो. दिल्लीकारांनी त्या दिसा जो आनंद व्यक्त केलो तो म्हजें मन भरून हाडपी आसलो".[43]

चंद्रकांत केणी 19 डिसेंबराचो आनीक एक उगडास व्यक्त करतात, त्या दिसा प्रधानमंत्री जवाहरलाल नेहरून सकाळीं फोन करून कांय गोंयकारांक आपले कडेन च्याक आपयले. तातूंत एक चंद्रकांत केणी आसले. गोंय स्वतंत्र जालें तेन्ना जवाहरलालांक खूब खोशी जाली. ही खोस पळोवन चंद्रकांत केणी तांकां म्हणटाले, "गोंय स्वतंत्र जाता तुमी तुमचो संदेश दियात, तेन्ना जवाहरलालांनी हांसून म्हळें, तुमचे इतलोच हांवूय उचांबळीत जालां, गोंय जावं दी पयलीं स्वतंत्र मागीर संदेश दिवया." दुसऱ्या दिसा 20 तारखेक चंद्रकांत केणींक जवहरलाल नेहरूचें एक पत्र मेळ्ळें. तातूंत तांणी बरयल्लो संदेश आसलो. तो असो, "गोंय स्वतंत्र जालां हाची म्हाका कितली खोस जाल्या ताची तुका कल्पना आसची ना. आज मेरेन भारताचें स्वातंत्र्य अपुरें आशिल्लें. गोंयच्या स्वातंत्र्याक लागून भारताचें स्वातंत्र्य पूर्ण जालां. तें मेळिल्लें स्वतंत्र गोंयकारांनी एकवटान, एकमेकाच्या सहयोगान चलोवचें आनी देश समृध्द करपाक हातभार लावचो." असो तो चार वळींचो संदेश आसलो.[44]

गोंय स्वतंत्र जालें तेन्ना चंद्रकांत केणी दिल्लीक आसले, स्वतंत्र गोंयचे व्हडवीके विशीं चंद्रकांत केणी उलयतना म्हणटात, "........ हिमालयांतल्या तमाम हिमशिखरांमदीं गौरीशंकर शिखराचें व्हडपण जशें नदरेंत भरता तशें 19 डिसेंबर 1961 ह्या दिसाची व्हडवीक नदरेंत भारता".[45]

गोंयचे राजकी परिस्थिती विशीं उलयता असताना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "....... गोंयांत कितें ना? देवान दिल्लें सगळें आसा. तें बरे भशेन सांबाळून वापरलें जाल्यार गोंयकार सासणाचे सुखी जावं येतात. पूण तांच्या वायट नशिबान आशिल्लें धन

सारकें सांबाळून वापरपाखातीर तांकां बरें सरकार अजून मेळूकं ना. गोंयच्या लांब इतिहासांत हांगाची सोबा आनी गिरेस्तकाय पळोवन लागशिल्ले आनी पयशिल्ले चोर आनी राजा गोंयांत आयले आनी तांणी गोंयचें धन लुटलें. घुरी घालतल्या भायल्या राजांक आडावंक वा चोरूंक आयिल्ल्या चोरांक धरपी सरकार गोंयांत नासलें. देखून गोंयकारांच्या वांट्याक बंदीवास आयलो. जो जो राजा गोंयांत आयलो ताणें गोंय विद्रूप केलें. गोंयकारांची जीण उध्वस्त केली, गोंयची संस्कृताय भंगयली आनी गोंयचें धन असुदाय लुटलें. पूण बरो राखणदार नाशिल्ल्यान गोंयकारांक ते सगले जुलूम आनी अत्याचार मोन्यांनी सोंसचे पडले".[46]

## <u>त्या काळाची आर्थीक परिस्थिती.</u>

गोंयची सामाजीक जीण पुर्विल्ल्या काळा सावन संथ आनी धादोशी आसली. आपल्यो आप-गरजो धादोशीपणान भागोवन जियेताले. गोंय हो मुखेलपणान शेतकामती (कृषि प्रधान) प्रदेश आसलो, आनी लोक शेतकामती जीण जगताले. तशेंच ह्या गांवाचे वेव्हारीक जिणेची अर्थवेवस्था पळोवपाच्या वावराचो पयलीं गांवकार आदर करताले. ही गांवकारी पंरपरा गांवांनी केन्ना सुरवात जाली तें सांगपाक जायना आसलें तरी गांवकार हो गोंयच्या समाजाचो एक म्हत्वाचो वांटो आसलो.

वेव्हारीक जिणेंत देवूळ ही संस्था पावना असो अणभव येतकच, गोंयच्या गांवांनी एकठांय येवन ग्रामसंस्थापनाखाला 'गांवकार' हीं संस्थानां स्थापीत केलीं. उपरांत हीं संस्थाना पुर्तुगेझांनी पुनर्संस्थापीत करून तांकां 'कोमुनिदादिश' अशें फिरंगी नांव दिलें, जें आतां मेरेन चलता. दर एका गांवांत, गांव गांवकाराच्या हातांत आसतालो. 1526 वर्सा जेन्ना गोंयच्या गांवकारांनी पुर्तुगेझ सरकारा कडेन करार केलो तेन्ना तातूंत णव्या अवेस्तरांत हो हक्क मानून घेतलो.[47]

कांसावले गांवांत लेगीत असलें ग्रामसंस्थापन आसलें. चंद्रकांत केणी ह्या ग्रामसंस्थापनाचे 'गांवकार' कार्य कशें रितीन चलतालें आनी तांची गांवां विशीं वेवस्था कशी आसली हाजे विशीं सांगतात, "दर एकलो गांवकार हो ग्रामसंस्थेचो वांगडी. शेतकाम,

समाज कल्याण आनी गांवाची हेर वेवस्था ग्रामसंस्था सांबाळटाल्यो. कुटुंबांतल्या दादल्यांक जाण्टेपणाची थारयिल्ली पिराय जायना फुडें ग्रामसंस्थेचें वांगडीपण आपसूक मेळटालें. गांवची जमीन आनी गांवचें उदक हें सगल्यांचे मालकीचें. ह्या तत्वाचेर ह्यो ग्रामसंस्था निर्माण जाल्यो. ह्या ग्रामसंस्थांनी गांवाच्या उदकाचें आनी जमनीचें नियोजन जातालें. गांवचे रचणुकेची वेवस्था तोखणाय करपासारकी आसली. खाऱ्या उदकाचे न्हंयचे देगेर खाजनां, त्या खाजनांक राखण दिवचे खातीर बांद, बांदाक मानशींची वेवस्था. मानशेंत नुस्तें धरपाची मांडणी, गांवां कणकणी उदकाखातीर तळें, जंय शेताभातांकच न्हय तर जनावरांक आनी सवण्यांक लेगीत उदक मेळपाची तजवीज, रेंवट आसलें थंय माड, उदक चड थंय कुळागरां, तांचेमदीं विसोळ थंय फळझाडां. दोंगराच्या मुळसाकडेन मड्डा, अनाथ भुरग्यांक आनी विधवांक अर्थीक आदार, अनाथ चलयांक लग्नामेरेन आदार. कुटुंबांतल्या चल्यांक जण. दीस वेगळे आसले. जमीन आसली पूण ती पिकावळी खाला हाडपाची शक्त उणी पडटाली. अशे तरेन शेंकडे गेले. जेन्ना संकट आयलें तेन्ना लोक गांव सोडून दुसरेकडेन गेले. संकट सोंपतकच परत आयले. राजकी स्थित्यंतराचो समाजजिणेचर व्हडलोसो परिणाम जालो ना. झुजां हीं झुजामळार जातलीं आनी तांचो धग लोकांमेरेन पावना आसलो. झुजांत जिखता तो राजा. राजा लेगीत खंड वसूल करपा भायर देवळांचे वा ग्रामसंस्थाचे वाटेक वचना आसलो.”[48]

1649 वर्सा पुर्तुगेझ सरकाराच्या हुकुमाप्रमाण गांवकारीचें धनीपण सरकाराच्या ताब्यांत घेतलें आनी पुर्तुगेझ सरकार गांवकाराच्या कारभारांत लुडबुडूंक लागलें. तातूंत शिदांव फारीक करून, तो वांटून दिलो.[49] अशे तरेन गोंयचे आर्थीक वेवस्थेंत कांय बदल घडपाक लागले आनी हे बदल गोंयच्या चडशा गांवांनी दिसपाक लागले.

गोंयच्या लोकाची त्या काळांत आर्थीक मुळावण शेतकामाचेर आदारिल्ली. एका लाखा परस चड गोंयकार जाचे पसून पोट भरतात तो शेतकाम हो गोंयचो मुखेल धंदो. गोंयचे साबार जमनींतली 36 टक्के म्हणल्यार 1,30,000 हॅक्टर्स जमीन पिकाखाला आसा.[50]

गोंयच्या लोकाची त्या काळांत आर्थीक मुळावण शेतां आनी भाटांचेर आदारीत आसली. हांगा जें पिकतालें तें हांगचे लोकसंख्येक पुराय तरेन पावनासलें. देखून कॅनाराच्या बंदरांतल्यान आयात करचें पडटालें.[51]

गोंयांत तीन चार म्हयन्यांनी भरपूर पावस पडटा. जाका लागून शेतां मळांक ओलसाण आनी पिकाळकाय हाडटा. तशेंच कांसावलेचे लोक शेतां भाटां रोयताले, हातूंत कांसावले हें दर्यादेगेर आसलें देखून थंय खाजनां खूब आसलीं. तशेंच पावसांत येवपी पीक ‘सरद’ आनी पावसा उपरांत येवपी पीक ‘वायंगण’ लोक काडटाले. ताचे वांगडा कणगां, मुळो, मिरसांग हें सारकीं शिंयाळीं पिकां कांसावलेंत लोक काडटाले. कांसावले हो प्रदेश दर्यावेळे लागीं आसलो. देखून हे खारे हवेक लागून हांगा माड खूब प्रमाणांत आसले. माडाचें पीक हें नाल्ल आसले देखून नाल्ला कडेन संबंद आशिल्ले धंदेय कांसावलेंत चलताले. तातूंत नाल्ल पाडपी पाडेकार, ते सोलपी लोक, नाल्लाचोच वेपार, सोडणां, कट्ट्यो, काथो, हांच्या पसून चलपी धंदेय, सूम, राजू, सारणी सारक्यो वस्तू करपी लोक आसले. तशेंच माडाच्या वांशा वांगडा माडाचीं चुडटां आनी मल्लांचो वेवसाय कांसावले चलतालो. तशेंच माडाची सूर काडून सोरो गाळपी रेंदेर ह्या गांवांत दिसतात.[52]

गोंय हो दर्यादेगेवेलो प्रदेश जाल्यार गोंयचो चडसो व्यवसाय दर्याचेर आदारून आसा. नुस्तेमारी हो गोंयचो मुखेल व्यावसाय. तेरेखोल ते काणकोण मेरेन पातळिल्ल्या गोंय राज्याक अरबी समुद्र आसा तर उत्तरेक तेरेखोल न्हंय व्हांवता. गोंयाक 133 किलोमिटर लांबायेची दर्यादेग लाबल्या. ह्या न्हंयांक लागून हो वाठार पिकाळ जाला, देखून दर्यादेगे वयल्या गोंयांत लोकवस्ती चड पळोवपाक मेळटा.[53]

दर्यावेळ लागीं आसल्या कारणान कांसावले नुस्तें खूब पडटालें. चंद्रकांत केणी म्हणटात, “तातूंत कांसावलेच्या बांगड्याची रूच वेगळीच. तशेंच बांगडे हांगा खूब पडटात ताच्या वागडां तरेकवार नुस्तें मेळटा. आदल्या काळासावन ह्या गांवांत नुस्त्याकडेन संबंद पावता. ह्या वेवसाय धंद्यांतलीं कुंटुबां कांसावलेंत खूब आसात. तशेंच गांव दोंगरी वाठारांत आसलो देखून ह्या वाठारांत चिऱ्यांखणी आसता. दोंगराचेर काजू झाडां आशिल्ल्यान, काजू संबंदीत धंद्याक वाव मेळटा, तातूंत फेणयेचो मुखेल धंदो आसा.”[54]

लोकाचो दिसपट्टो ग्रास शीत-कडी आसलो. तशेंच गांवकाऱ्यांचेर आदारिल्ली गांवकारीपणाची अर्थ वेवस्था शेतकामाचेर चड भर दिताली. तांचे भोवतणचे हेर वेवसाय, गरजो आनी काम-धद्यांक वाव मेळटालो.

गोंयांत (तेलीग्राम) ही डाक सेवा 1943 वर्सा सावन सुरू जाली. तशेंच 1881 वर्सा सावन रेल्वे मुरगांवांतल्यान सुरू जाली. तातुंतलें एक स्टेशन कांसावले आसलें. ह्या रेल्वे स्टेशना विशीं उलयतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "गोंयच्या नकाशांत कांसावले ह्या गांवाचें नांव आसा तें रेल्वे स्टेशनाक लागून, मुरगांव-लोंढा रेल्वे मार्गावयलें हें एक ल्हानशें स्टेशन. रेल्वे स्टेशनाखातीर कांसावले गांव पसंत केलो, ताका लागून पंचक्रोशींत तोच मुखेल गांव जावन बसलो".[55] गोंयचे अर्थवेवस्थेंत तार आनी रेल्वेन खूब म्हत्वाचें कार्य केलें.

गोंयांत पोरणे वेवसाय चलताले पूण जसो लोकांचो आंकडो वाडपाक लागलो, तशे तशे हे पोरणे वेवसाय आनी धंदे लोकांच्यो गरजो पुराय करपाक उणे पडपाक लागले. तशेंच येवरोपी देशांचें राज असल्या कारणान, गोंयांत आधुनिकीकरण जावपाक लागलें. गोंयच्या बंदरांनी तारवां येवपाक लागलीं. तातूंत मुरगांव हें गोंयचें मुखेल अशें बंदर जावन पडलें. ह्या बंदराक जीं तारवां लागतालीं तातूंत काम करपाक मनीस जाय आसले आनी तांकां बऱ्या पगाराची नोकरी मेळटाली. देखून कांय गोंयकार तारवार कामाक गेले आनी जोडून आपल्या घरच्यांक पयशे धाडपाक लागले. तांच्या पयशांक लागून गोंयचे अर्थवेवस्थेंत एक वेगळे तरेची भर पडली जाका लागून लोकांच्या हातांत पयशे घोळपाक लागले.[58]

जेन्ना 1947 वर्सा भारत देस स्वंतंत्र जालो तेन्ना गोंय पुर्तुगेझ शासनाखाला आसलें. भारत सरकारान पुर्तुगेझ सरकाराक आपखोशेयेन गोंय सोडून वचपाक सांगलें, पूण पुर्तुगेझ सरकारान तें न्हयकारलें. तेन्ना 1955 ते 1961 वर्सा मेरेन गोंयचेर आर्थीक आडो (economic-blocade) भारत सरकारान घातलो. भारतांतले खंयचेय वस्तूक तशेंच मनशाक गोंयांत येवपाक वचपाक मेळानासलें. पूण ह्या आर्थीक आड्याचो फायदो भारत सरकाराक जालो ना. पूण हाचो फायदो मात गोंयचें आर्थीक वेवस्थेक खूब जालो. ह्या काळांत पुर्तुगेझ सरकारान चोरयां (smuggling) करून भायल्या देशांतल्यान, तशेंच भारत देशांतल्यो वस्तू गोंयांत हाडून गोंयच्या बाजारांत सर्वसामान्य लोकांक उपलब्ध करून दिवपाचें कार्य केलें. तातूंत मसालो, कांदो, वाटाणे-चणें (cereals), तांदूळ, मिरसांग बी वस्तू आसल्यो.[57]

पुर्तुगेझ राजवाटी खाला पयली शेतकामांत व्हडलिशी प्रगती जावंक नासली, कारण पुर्तुगेझ सरकारान हातूंत व्हडलेंशें लक्ष घालूंक नासलें. ह्या आर्थीक आडावाक लागून ह्या

मळार कितें करचें अशें पुर्तुगेझ सरकाराक दिसपाक लागलें, देखून शेतकाराक कांय सवलती सोंपेपणान करून दिवपाची तजवीज केली.[58]

गोंयचे आर्थीक वेवस्थेंत बदल घडून येवपाक लागलो, ताका साबार आनीक कारणां आसली तातूंत मुखेल म्हणल्यार, तेन्ना संवसारांतलें दुसरें म्हाझूज सोंपून संवसारांतले जायते देस मुक्त जाल्ले. तातूंत भारत एक आसलो. भारत देशांत जावपी राजकी आनी आर्थीक बदलाक लागून गोंयांत पुर्तुगेझ अर्थ वेवस्था हालपाक लागली. ह्याच काळांत भारतान गोंयचेर आपलो आधिकार जाहीर केलो. देखून गोंय आपल्या शासनांत उरचें म्हूण पुर्तुगेझ सरकारान 1947 वर्सा सावन आर्थीक वेवस्थेंत बदल आनी सुदार घडोवन हाडलो.

ह्या काळांत पुर्तुगेझ सरकारान आर्थीक वेवस्थेंत गतिमान विस्तार करून गोंयचे आर्थीक वेवस्थेक अदीक वाव मेळ्ळो, तातूंत चड भर खणी वयल्या मिनाच्या फातराक आनी मातयेक दिलो. 1950 मेरेन मीन उद्येग हो गोंयच्या आर्थीक वेवसायाचें एक मुखेल आंग आसलें. तसो ताचो प्रभाव हेर वेवसायांचेर दिसपाक लागलो. मीन वेवसायाक लागून खूबशा लोकांक नोकऱ्यो फावो जाल्यो. तातूंत मानाय-कामेरीं, भत्त्याचेर काम करपी मनशां, ट्रक चलोवपी ड्रायवर मिनाचेर वावर करपाक लागले. तेच तरेन मिनाची ग्रेड म्हणल्यार लोखंडाचें आनी मेगनिजाचें प्रमाण तपासपाक गोंयांत प्रयोगसाळो आयल्यो, आनी तातूंत वावुरपी लोक लेगीत आयले. तशेंच मुरगांव हें गोंयचें मुखेल बंदर जालें. थंय तरातरांच्यो नोकऱ्यो लोकांक मेळपाक लागल्यो. ह्या काळांत गोंया भायले लोक मिनाचेर काम करपा खातीर येवपाक लागले. तशेंच गोंयांतल्या गोंयांत स्थलांतर जातालें, ते चड करून शेतकार आसले. ते नोव्हेंबर ते मे मेरेन स्थलांतर करताले आनी पावसांत मीन बंद आसतालें त्या वेळार आपल्या मूळ गांवांनी येवन शेतकाम करताले.[59]

येरादारीचे नदरेन तेन्ना रस्त्या वयल्यान गोंयांत मिनाक बरे दीस नासले, देखून मिनाची येरादारी उदकाचे येरादारीचेर खूब आदरिल्ली आसली. तशेंच मिनाचो उद्येग हो गोंयचे अर्थीक वेवस्थेचो कणो जाल्ल्या कारणाक लागून गोंयची जोड (per capita income) वाडली. ह्या काळांत गोंयच्या पोरण्या वेवसायाक लुकसाण जालें आनी शेतां व्हड प्रमाणांत उबंत पडलीं.

ह्या काळांत गोंयांत जायत्यो येवरोपी वस्तू आयात जावपाक लागल्यो, तातूंत युरोप, जपान, चीन, भारत सारके देस आसले. हेर देसांतल्यान आयात केल्ल्यो वस्तू गोंयच्या बाजारांत सहजपणान उपलब्ध जाताल्यो. तातूंत घड्याळां, पेनां, इलॅक्ट्रोनीक वस्तू, रेडियो, चेर, व्हाणों, कपडे सारक्यो वस्तू मेळटाल्यो.[60]

हे सारक्यो आयात केल्ल्यो वस्तू गोंयांत सहज मेळटाल्यो. तशेंच गोंय हें सैमाच्या सौंदर्यान नटिल्लें आनी दर्यावेळांक लागून संवसारांत फामाद जालें. 1961 वर्सा भारत सरकारान गोंय मुक्त केलें.

गोंयचेर पुर्तुगेझ राजवट आसतना पुर्तुगेझ गोंय कशें करपाक सोदताले हाचेर चंद्रकांत केणी सांगतात, *"During the days of the Portuguese, we have to say that Goa is so culture and advanced that one who has seen Goa need not visit Lisboa. They wanted to impress upon the people of Goa that Goa could attain this prime position because of pressure of the Portuguese rule. The Portuguese have given Goan a distinct identity, concern for human dignity and opened new vistas before them by bolinging with them their sense of fashion and atlire, cuisine, western style etc"*.[61]

"1947 वर्सा भारत स्वंतत्र जाल्लो. त्या 15 वर्सांच्या कालखंडांत भारतभर आर्थीक विकास दोळ्यांत भरता असो घडून आयिल्लो. विशेश करून उद्येगीक विकास. परकी पुर्तुगेझ सत्तेक लागून तो गोंयांत जावंक नाशिल्लो." अशें पुरूषोत्तम काकोडकार म्हणटात.[62]

## निश्कर्श:

त्या काळाची सामाजीक, राजकी आनी आर्थीक परिस्थिती हांचो अभ्यास केले उपरांत ह्या निश्कर्शाचेर पावता की कथाकार चंद्रकांत केणींचे व्यक्तित्व लेगीत हे परिस्थितींतल्यान निर्माण जालां. कथाकार चंद्रकांत केणींचो जल्म ज्या दसकांत जालो तें दसक सामाजीक, राजकी आनी आर्थीक तशेंच इतिहासीक नदरेंतल्यान म्हत्वाचें थारता. कथाकार चंद्रकांत केणींचो जल्म जालो तेन्ना गोंयच्या लोकांक कसलीच मेकळीक आनी

स्वातंत्र्य नासलें. तशेंच ह्या काळांत गोंयचे राजकी, सामाजीक आनी आर्थीक परिस्थितींत व्हड संघर्शीत भुमिका निर्माण जाली. ह्या काळांत दर एका गोंयकाराच्या मनांत आपल्या अधिकाराचेर प्राप्ती संचेत जावपाक लागलो. ह्या काळांत एक विद्रोही स्वर गोंयांतल्यान येवपाक लागलो. तशेंच ह्या काळांत भारत सरकार लेगीत गोंयच्या राजकी, आर्थीक आनी सामाजीक भविश्या बद्दल अदीक जागरूक जाल्लो पळोवपाक मेळटा. प्रत्येक साहित्यकार आपल्या सामाजीक आनी आर्थीक परिस्थितींतल्यान संघर्श करून आपलें व्यक्तितत्व निर्माण करता. देखून असलें व्यक्तितत्व समाजा खातीर प्रेरणाप्रद थारता. कथाकार चंद्रकांत केणींचो काळ म्हणल्यार गोंयच्या इतिहासांतलो म्हत्वाचो काळ आसा. त्या काळांत परिस्थितीचो प्रभाव कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी दिसता. देखीक ‘म्हाळू पै’ सारकी कथा. कथाकार चंद्रकांत केणीचें भुरगेपण कांसावलेच्या गांवांत गेलें, थंयचो हिंदू किरिस्तांव समाज एकचारांत रावतालो. मडगांवच्या लोहिया मैदानाचेर जाल्ल्या गोंय मुक्तीच्या बंडाचो प्रभाव कथाकार चंद्रकांत केणींचेर जालो. हाका लोहिया प्रभाव अशें म्हणपाक जाता. तशेंच गोंय मुक्त जावपाक जाय म्हूण थंय सावन तरेकवार प्रयत्न करताले. तशेंच ते गोंयच्या राजकी सामाजीक मळाचेर वैचारीक तरेन खूब वावुरल्यात.

***

**संदर्भ.**


1. डॉ. धर्मध्वज, त्रिपाठी. प्रेमचन्द्र : कथा साहित्य समीक्षा और मुल्यांकन. प्रेम प्रकाशन मंदिर, दिल्ली; 1993. पान क्र. 60.
2. Hudson, William Henry. An Introduction to Study of Literature. Kakyan Publisher New-Delhi; पान क्र. 31.
3. Raghava, Sulochana Rangeya. Sociology of Indian Literature. : *A sociological study of Hindi novel*. Rawat Publication, Jaipur; 1987. पान क्र. 3.
4. …… जाग. जानेवारी-फेब्रुवारी 2008. पान क्र. 3. लेखः जिणे फातरीर काळीज घांसून उजवाड दिवया : डॉ. सरदेसाय, माधवी.
5. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां-फेस्त. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 18.
6. Gomes, Olivinho J. F. Goa. National Book Trust of India; 2004. पान क्र. 49.
7. Prof. Skelk, Ali B. Goa wins Freedom: Reflection and Reminiscences. Goa University, Goa; 1986. पान क्र. 2.
8. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 17. लेख : चंद्रकांतबाब केणी ....... : सर्गेस्त सरदेसाय, मनोहराय.
9. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पान क्र. 95.
10. Borges, J., Charles. Pereira, Oscar. G. Stabbes. (संपादक). Goa and Portugal: History and Development. Concept publishing company, New-Delhi; 2002. (Art: The Inquisitorial Edict of 1736 as Prohibiting and Permitting Syncretic Practice - by Rowena Robison). पान क्र. 285 - 315.
11. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां-फेस्त. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 13.
12. तत्रैव; पान क्र. 11.

13. केणी, चंद्रकांत. प्रतिबिम्ब. Majestic Prakashan, Mumbai; 1994. पान क्र.15.
14. …… कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक, पान क्र. 5. लेख : गोंय बदल्ला आनीकय बदलतलें! : करमली, नागेश.
15. डॉ. सरदेसाय, मनोहराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोशः खंड पयलो. गोंय विश्वगविद्यालय, ताळगांव-गोंय; पान क्र. 650-652.
16. Prof. Skelk, Ali B. Goa wins Freedom: Reflection and Reminiscences. Goa University, Goa; 1986. पान क्र. 76.
17. …… बिम्ब. दिवाळी अंक 2006. पान.क्र. 9-23. लेख : "यादी : कांय कोडू कांय गोड" : केणी, चंद्रकांत
18. …… The Navhind Time. May 25, 2008. लेखः education policy (what Goa needs) : Keni, Chandrakant.
19. …… जन मन, चवथ अंक, ऑगस्ट 31, 2003. पान क्र. 12. लेख : गोंयचें स्वतंत्र राजकी अस्तित्व …… : हळर्णकार, तानाजी.
20. …… बिम्ब. दिवाळी अंक 2006. पान.क्र. 9-23. लेख : "यादी : कांय कोडू कांय गोड" : केणी, चंद्रकांत.
21. …… The Navhind Times. *Panorama*. December 21, 2008. Goa then now, col: my journey by Cardozo, Tomazino.
22. ……… सुनापरान्त, डिसेंबर 19, 2003. (विशेश गोंय मुक्ती दीस पुरवणी). लेख : गोंयचो इतिहास : प्रा. साखरदांडे, प्रजल.
23. डॉ. देसाय, गुणजी सदानंद. शणै गोंयबाबांलें कोंकणी साहित्य आनी सामाजीक चेतना. गोंय विद्यापीठांत सादर केल्लो प्रबंद. 2008. पान क्र. गरजेची दोन उतरां.
24. Prof. Skelk, Ali B. Goa wins Freedom: reflection and reminiscences. Goa University, Goa; 1986. पान क्र. 2-3.
25. Gomes, Olivinho J. F. Goa. National Book Trust of India; 2004. पान क्र. 56-57. Prof. Skelk, Ali B. Goa wins Freedom: Reflection and Reminiscences. Goa University, Goa; 1986. पान क्र. 3.

26. …… कुळागर, दिवाळी अंक 1985. पान क्र. 5 - 10. लेखः कोंकणी भास आनी साहित्य हांचो संक्षिप्त इतिहास : डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय.
27. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. (संपादक). कौल. ओपिनियन पोल दशकपुर्ती विशेश अंक 1977. उजवाडावपी : डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. पान क्र. 4.
28. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 405.
29. द सौझ, झोतिकु. नेहरू आनी गोंय, राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 6.
30. …… जाग. जानेवरी 1997. पान क्र. 23-24. लेखः एक म्हत्वाचो दस्तावेजः केळेकार, रवीन्द्र.
31. तत्रैव.
32. द सौझ, झोतिकु. नेहरू आनी गोंय. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 5.
33. …… जाग. ऑगस्ट 2009. पान क्र. 9. लेखः डॉ राममनोहर लोहिया आनी सप्तक्रांती : करमली, नागेश.
34. …… जाग. जाने - एप्रील 2010. पान क्र. 2. लेख : गोंयच्या इतिहासांत …. : डॉ. सरदेसाय, माधवी.
35. …… सुनापरान्त. डिसेंबर 19, 2003. (विशेश गोंय मुक्ती दीस पुरोवणी). लेखः गोंयचो इतिहास : प्रा. साखरदांडे, प्रजल.
36. केळेकार, रवीन्द्र. आशिकुशीक. जाग प्रकाशन, पाजीफोंड मडगांव-गोंय; 2007. पान.क्र. 25.
37. …… नव प्रभा. फेब्रुवरी 4, 2004. पान क्र. 2.
38. द सौझ, झोतिकु. नेहरू आनी गोंय. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 5-6.
39. …… जाग. दिवाळी अंक 1995. पान क्र. 21 - 23. लेख : यादी विसरायेच्या तळाक बशिल्ल्यो : केणी, चंद्रकांत.
40. …… जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 24. लेखः चंद्रकांत केणी. …..: करमली, नागेश.

41. Deora M. S. (संपादक). Liberation of Goa, Daman and Diu from Portuguese rule. Discovery Publishing House, New-Delhi; 1995. पान क्र. 10 - 114.

42. द सौझ, झोतिकु. नेहरू आनी गोंय. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 1996. पान क्र. 27.

43. .......... कोंकणी दिवाळी अंक, 1999. पान क्र. 37 - 38. लेख : 19 डिसेंबराक सुखान दुकां गळयलीं ... हांव कृतार्थ जालों : केणी, चंद्रकांत.

44. तत्रैव.

45. तत्रैव.

46. केणी, चंद्रकांत. गोंय आनी गोंयकार. साहील प्रकाशन, पणजी-गोंय; 2002. पान क्र. 10.

47. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 446 - 452.

48. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां-फेस्त. गोवा कोंकणी अकदेमी, पणजी-गोंय; 2002. पान क्र. 9-10.

49. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 446 - 452.

50. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. (संपादक). कौल. ओपिनियन पोल दशकपूर्ती विशेश अंक 1977. उजवाडावपी : डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. पान क्र. 32.

51. डॉ. सरदेसाय, मनोहराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोश : खंड पयलो. गोंय विश्वगविद्यालय, ताळगांव-गोंय; पान क्र. 649.

52. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां-फेस्त. गोवा कोंकणी अकदेमी, पणजी-गोंय; 2002. पान क्र. 6.

53. ........ जाग. डिसेंबर 1997. पान क्र. 9. लेख : गोंयची नुस्तेमारी : नायक, जितेंन्द्र.

54. केणी, चंद्रकांत. कांसावलेचें रायां-फेस्त. गोवा कोंकणी अकदेमी, पणजी-गोंय; 2002. पान क्र. 6.

55. तत्रैव; पान क्र. 5.

56. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 449.

57. Borges, J., Charies, Perira, Oscar. G. Stabbes. (संपादक). Goa and Portugual: History and Development. Concept Publishing Company, New-Delhi; 2002. पान क्र. 77.

58. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 449.

59. Borges, J., Charies, Perira, Oscar. G. Stabbes. (संपादक). Goa and Portugual: History and Development. Concept Publishing Company, New-Delhi; 2002. पान क्र. 73-80.

60. तत्रैव;

61. .......... The Navhind Times. Panorama, August 10, 2008. लेखः on the brink of Disaster, (col- what Goa needs ?) by Keni, Chandrakant.

62. .......... कुळागर. दिवाळी अंक 1986. पान क्र. 25. लेखः संघप्रदेश सर्वमत आनी घटकराज्य : काकोडकार, पुरूषोत्तम.

## 2.2 युगीन परिवेशा अंतर्गत भोंवतण, वातावरण आनी परिस्थिती हांचो प्रभाव.

एकाद्र्या साहित्याच्या यथार्थाचें मुल्यांकन करतना गरज आसता ती तांच्या परिवेशाचें परिक्षण करपाची. साहित्यकाराचे जिणेंतली प्रत्येक विधा आपल्या परिवेशांतल्यान उत्पन्न जाता. परिवेशाच्या माध्यामांतल्यान साहित्यकाराचे जिणेंत घडिल्ल्या वेगळ्या वेगळ्या घडणुकांचो अभ्यास करूं येता. बरोवप्याचे प्रक्रियेच्या परिवेशजन्य स्थितीचो प्रभाव रचनाकाराचेर म्हत्वपूर्ण आसता.

परिवेश म्हणल्यार कितें? ह्या उतराचो अर्थ R. S. Mc Gregor असो दिता," परिवेश म्हळ्यार "surrounding, environment, atmosphere".[1] ह्या इंग्लेज भाशेंतल्या उतराचो कोंकणी पर्यायवाचक अर्थ असो मेळटा, 'surrounding' म्हळ्यार भोंवतणचें 'environment' वातावरण तर 'atmosphere' म्हणल्यार भोंवतणची मानसीक वा नितीक परिस्थिती.[2] हीं तिनूय उतरां (surrounding, environment, atmosphere) जेन्ना एकठांय येतात तेन्ना जें कितें एकरूप जाता ताका परिवेश अशें म्हणटात.

दर दिसा दर एका समाजांत कसलो ना कसलो बदल जाता. बदल हो सैमीक आसता देखून जेन्ना जेन्ना समाजांत वा खंयच्या क्षेत्रांत बदल जाता तेन्ना त्या त्या क्षेत्रांत वा त्या त्या समाजांत वावूरतले व्यक्तीचेर ह्या बदलांचो परिणाम जाता. ज्या समाजांत एकाद्री व्यक्ती म्हूण एकाद्रो साहित्यीक रावता आनी तातूंत वावूरतना त्या बदलाचो परिणाम त्या साहित्यकाराचेर लेगीत जाता.

दर एका युगांत हो असो बदल घडटा आनी आपापल्या युगांत तो बदल जितलो म्हत्वपूर्ण आसता तितलोच गरजेचो लेगीत आसता. हो बदल वा घडणूक ज्या युगांत घडटा तो बदल वा घडणूक त्या त्या युगाचो परिवेश थारता. खंयच्या युगांत कसलो बदल जालो,तो कित्याक लागून जालो आनी त्या बदलाक लागून त्या युगांत,त्या समाजांत कसल्या वातावरणांत,ताचे भोंवतणी कसलो परिणाम तयार जालो जाका लागून कसली परिस्थिती उत्पन्न जाली हाजें एकाद्रें चित्र आमकां इतिहासीक पुस्तकांत मेळूं येता. पूण त्या युगांत

रावपी दर एका मनशाचेर कसो परिणाम जालो हें जाणून घेवपाक त्या त्या समाजांत रावपी व्यक्तीचो त्या त्या बदला कडेन वा घडणुके कडेन पळोवपाचो दृश्टीकोण म्हत्वाचो थारता. असो त्या समाजांत रावपी एक व्यक्ती म्हूण एक साहित्यीक आसता, तो त्या समाजांत रावता-वावूरता देखून त्या बदलांचो वा घडणुकांचो परिणाम ताजेर जाता आनी ताचो ह्या सगळ्यां कडेन पळोवपाचो दृश्टीकोण तयार जाता. हो दृश्टीकोण त्या काळांचो परिवेश थारायता. हो दृश्टीकोण घेवन साहित्यीक आपलें कार्य करता. ह्या संबंदांत Sulochana R. Ranghava. अशें म्हणटात, *"Work`s of literature do not come into existence autonomously. They are linked with a number of social, cultural, economic and political factors, which helps in the understanding of their genesis, form and content".*[3]

दर एक यूग आपल्या वांगडा एक नवो युगीन परिवेश घेवन येता, देखून त्या युगांत रावपी एक व्यक्ती म्हूण साहित्यकार ह्या परिवेशाच्या परिणामांतल्यान चुकना. कारण ह्या युगीन परिवेशाचेर परिणाम ताच्या सगळ्या व्यक्तित्वाचेर आनी साहित्याचेर जाता. ह्या संबंदात व. दि. कुलकर्णी म्हणटात, "ग्रंथकार ज्या काळांत जगतात त्या काळाचो, त्या काळांतल्या विचार प्रवाहाचो समजुतीचो, राजकीय, समाजीक, धार्मीक परिस्थितीचो ताच्या लेखनाचेर परिणाम जायत आसता."[4]

इतिहास गवाय आसा, दर यूग आपल्या अंतर्गत एक नवो युगीन परिवेश तयार करता तसोच फुडें तो करीत रावतलो.

## **चंद्रकांत केणींचो पयलो वयलो संस्कार.**

चंद्रकांत केणींचें भुरगेपण कांसावले गांवांत गेलें. तातूंत कुवेली, आरशी, पाळी, वेळसांव आनी कांसावली हें पांच गांव एकठांय येवन एक व्हड गांव जाता. कुवेली गांवचे उदेंतेक आशिल्ल्या दोंगरांक रेमेतीचो दोंगर ह्या नांवान वळखतात. ह्या गांवांत रेमेतीच्या कपेला कडेन वचपाक वेगळे वेगळे मार्ग आसात. तांकां पांज अशें म्हणटा. खंयचेय पांजींतल्यान वयर सरल्यार निमणे कडेन रेमेतीच्या दोंगरार, रेमेतीच्या कपेला कडेन पावतात.

चंद्रकांत केणींचेर सगळे संस्कार हांगाच जालें अशें ते मानता. हे विशीं ते म्हणटात, “म्हजे संस्कार चकचकीत जाले ते चार गांवां सावन वतात ते वेगळे वेगळे मार्ग जांकां पांज म्हणटात तातूंत. खंयचेय पांजी वयर सरल्यार निमणे कडेन आमी दोंगुल्लेचे तेंगशेर पावतात. थंय व्हडलें पठार आसा. ल्हानपणांत म्हजे वळखीचो एक रेंदेर ‘इस्तोद’ हाणें म्हाका सांगलें, ‘खंयचेय वटेन वच निमणे सायबिणी म्हऱ्यांत पावता. सायबिणीक वाटो चार. पूण तशेंच खंयच्याय धर्मात वच निमाणें एकाच देवा कडेन पावतात.’ ह्या साद्या प्रसंगांचो प्रभाव म्हजेर खूब पडलो. ते फुडें म्हणटात, “त्या निरक्षर रेंदेराक जे समजतालें ते व्हडल्या व्हडल्या राजकी फुडाऱ्यांक लेगीत समजनासलें अशें म्हाका तरी दिसलें. जर त्या रेंदेराक साधन सुविधा मेळिल्ल्यो जाल्यार, धर्मा-धर्मां मदीं भावपण वाडोवपाची कार्यावळ तो खूब मुखार व्हरूंक शकतलो आसलो.”[5]

ह्या ल्हानशा प्रसंगान चंद्रकांत केणी खूब प्रभावी जाले. ह्या प्रसंगाक ते आपले जिणेंतलो पयलो वयलो संस्कार अशें मानतात. तशेंच जिवीतभर चंद्रकांत केणींक ह्या रेमेत सायबिणीच्या दोंगरा विशीं एक वेगळें आकर्शण आसलें.

## <u>चंद्रकांत केणीचो कोंकणीचो पयलो वयलो दिश्टावो.</u>

चंद्रकांत केणींच्या भुरगेपणांत गोंय हें पुर्तूगेज राज्या खाला आसलें. त्या काळांत कोंकणी भाशेक वेव्हारांत बंदी आसली. पूण ती सर्वसामान्य भौसाच्या तोंडांतल्यान घोळटाली. अशे परिस्थितींत कोंकणीचो दिश्टावो जावप म्हणल्यार एक व्हड अजाप.

30 जानेर 1948 वर्सा दिल्लींत महात्मा गांधीजींची हत्या जाली. भारत सरकारान देशाच्या सगल्या वाठारांनी महात्मा गांधीचे रक्षेचें विसर्जन करपाची येवजण थारयली. गोंयच्या वांट्याक लेगीत थोड्यो अस्थी आयल्यो. त्या अस्थींचें विसर्जन मडगांव जावपाचें आसलें. तातूंत थंय सावन मिरवणूक काडून त्यो कोलव्यां दर्यांत विसर्जन करपाच्यो आसल्यो. चंद्रकांत केणींक हो इतिहासीक खीण पळोवची इत्सा आसली. पूण मडगांव थंय पोलीस आगळीक करीत आनी तातूंत भुरगीं चिड्डून वचत असले तरेचीं कारणां दिवन तांकां कांसावलेच दवरले. ते पिरायेंत चंद्रकांत केणींनी गांधी विशीं थोडें वाचिल्लें आनी

खूबशें आयकल्लें. हे विशीं चंद्रकांत केणी सांगतात, कांसावले आमचें चार चौगांचें घर. घरांत पुस्तकां, नेमाळीं आसतालीं. रातच्या वेळार घरच्या जाणटेल्यांमदीं चर्चा आनी वादय जातले. थोडेंशें समजतालें, खूबशें समजनासलें. हे फाटभुंयेचेर गांधी विसर्जना वेळार हांवें कोलव्यां वचूंक जाय अशें म्हजें मन म्हाका सांगतालें.[6]

कांसावलेच्यान कोलव्यां चड पयस नासलें. त्या वेळार वाहनां म्हळ्यार सायकली. गांवांतले जाणटेले सायकलीन कोलव्यां गेले. पूण चंद्रकांत केणी थंय वचूंक नात तें एक बरेंच जालें, कारण मडगांव अशीं गजाल घडिल्ली, मडगांवाच्या अस्थींतलो थोडो वांटो कांसावले हाडून दर्यांत विसर्जीत करपाची एक येवजण थंयच्या कांय जाणांनी आंखिल्ली. पूण अस्थी हाडूंक गेल्ले लोक आयलेनात, तेन्ना गांवचे उरिल्ले सगळे दादले कोलवें गेले. हें पळोवन तांची भावना आनीक दुखावली. हे विशीं ते म्हणटात, "सगलो गांव कोलव्यां गेलो आनी हांव आनी म्हजे सारके भुरगे, थोडे जाणटे आनी बायलो तितल्यो गांवांत उरल्यात, असो विचार मनांत दाटून आयलो. दिसलें आमचे हागां एक इतिहास घडटा आनी आमी तो पळयलोच ना, अशें कशें जावं येता? पूण तशेंच जाल्लें. गांधीचें दर्शन घडूंक नासलें, तशें पळोवंक गेल्यार हांव गोंयाभायर पावंकूय नासलों. गांधींचे फोटो पळयल्ले, गांधी चरित्राच्यो कांय कथा वाचिल्ल्यो. गांधी ही एक महान विभुती, दिव्यत्वाक पाविल्लें एक व्यक्तिमत्व, ताचें दर्शन घेतलें जाल्यार पुण्य मेळटालें, असो विचार मनांत घर करून बशिल्लो. म्हजें मन अशांत जाल्लें अनी वाटेर कोणेंय 'तूं गेलो ना कोलव्यां?' अशें विचारलें जाल्यार घायाचेर मीठ शिंपडायल्ले भशेन जावन दोळ्यांनी दुकां येतालीं" असली भावना तेन्ना चंद्रकांत केणींक जाणवताली.

त्या दिसा आमोरेचेर इगर्जेच्यो घांटी वाजल्या उपरांत कोणेतरी येवन चंद्रकांत केणींक सांगलें, 'गांधीजीच्यो अस्थी पावल्यात. आतां कांसावलेचे वेळेर विसर्जन जावपाचें आसा'. तें आयकून चंद्रकांत केणी वेळ वगडायनासतना स्टेशना कडेन गेले. थंयचें वातावरण गंभीर आसलें. ताचें वर्णन ते अशें करता, 'भायले वटेन पणसाच्या झाडा पोंदा एका मेजार कुंकमाच्या करंडा इतले ल्हान रुप्याचें करंड दवरिल्लें. कुशीक दोन पेट्रोमॅक्स आनी सकयल स्टुलाचेर गांधीजीचो फोटो. धा पदरां मिनटां सगलें वातावरण बदलिल्लें,

गांवचे शंबर-दोनशें लोक थंय एकठांय जाल्ले. वासपूस करतकच चंद्रकांत केणींक कळ्ळें, मडगांवच्या अस्थीकलशांत आल्फिनेत बुडोवन कांय कण कांसावले व्हरून दिल्ले. पूण ते मेळटासर तांकां गाडी चुकली आनी उपरांत ते टॅक्सी करून कांसावले आयिल्ले. ते राती भितर त्यो अस्थी विसर्जन करपाचें थारायलें. उपरांत एके ल्हानशे मिरवणुकेंत त्यो अस्थी दर्यावेळेर पावल्यो. उपरांत दोग जाण व्हड्यांत बसून फुडें वचून त्या अस्थींचें विसर्जन करून परत आयले. उपरांत थंय वेळेर एक सभा जाली. तातूंत एक वक्तो म्हूण गांवचो दोतोर खडेगांठ पुर्तूगेज भाशेंतल्यान उलयलो. तें उलोवप थंय आशिल्ल्या कोणाकूच समजलें ना. तेन्ना कोणें तरी चंद्रकांत केणीक हात लावन विचारलें, तू कित्याक उलयना? तेन्ना ताची गत संत ज्ञानेश्वराचे - *'आधी साखर आवडे ..... आणि तिही ओखदा जोडे'*..सारकी जाली.

हे इतिहासीक सभेंत उलोवपा खातीर ताणें वेळ केलो ना. तेन्ना तांकां पाठ आशिल्ल्या एका मराठींतल्या वाक्यांतल्यान उलयलो, ताणें सगळें बळगें एकठांय हाडून म्हळें, 'बंधू भगिनीनो'. तेन्ना थंय उबो आसलो सांतान रेंदेर तांचेर धेंगसलो. म्हळें, "तो फिरंगी उलयलो, तू मराठींत उलयता. आमकां कांयच समजना, मागीर आनी हांगां कित्याक रावपाचें'' थंय हाजीर आशिल्ल्या पाऊणशें-शंबर लोकांनी हयकार दिल्लो. त्या लोकांनी चंद्रकांत केणींक सामको गोंदळून उडयलो. तांचो गोंदळ पळोवन जुझे खारव्यान तांकां कोंकणींत उलोवपाची सुचोवणी केली. तशेंच थंय आशिल्ल्या दोतोरान तांका कोंकणी उलय अशें सांगलें. अशे हे परिस्थितींत चंद्रकांत केणी आनीक गोंदळून गेले. आपूण कितें उलयतलो हो विचार तांच्या मुखार आयलो. अशा वेळार एक आडेचो नेट हाडून तांणी व्हडान आपलें भाशण सुरू केलें, "भावांनो आनी भयणिंनो, दीस भर धर्तरेचेर उजवाड फांकारिल्लो सूर्य अस्ताक गेला आनी धर्तरी काळखांत बुडून गेल्या. मनीस जातीकय सत्य आनी अहिंसेचो दिश्टावो घडोवपी सुर्या भशेनच चकचकीत महात्मा गांधी गेलो आनी मनशाच्या संवसारांत काळोख पातळ्ळा. मळबांतलो सुर्या फाल्यां परत उदेतलो. सवणीं-सावदां उठून कामाक लागतलीं, पूण अस्ताक गेल्लो गांधी परत येवचोना. तागेल्या देहाचो निमाणो अंश आज विसर्जीत जाला.... पूण गांधी मरचो ना. मनशाच्या काळजांत तो सदांच

उदेल्लो उरतलो. जो मेरेन संवसारांत न्यायनीत उरतली, तो मेरेन मनीस जात गांधीचो उगडास काडीत उरतली."[7] आनी हें भाशण सोंपलें तेन्ना लोकांनी ताळयांचो गडगडाट केलो. दोतोरान शाबासकी दिली. सांतानान तांकां आपल्या खांदार उखलून गांवांत हाडले.

ह्या संबंदांत सर्गेस्त मनोहरराय सरदेसाय अशें सांगता, "ल्हान पिरायेंतली एक याद चंद्रकांत केणी अभिमानान सांगातात. 1948 वर्साची गजाल. महात्मा गांधींची 'रक्षा' मडगांवां हाडिल्ली आनी तिचें कोलवें वेळेर विसर्जन जावपाचें आसलें. पूण सांजवेळ जाली तशी 'रक्षा' पावली ना आनी जाण्टे सायकली घेवन कोलव्यां गेले. उसरां रक्षा पावली. कांय मूठभर लोक ह्या वेळार हाजीर आसले. काळोख जावचे आदीं विसर्जन करपा खातीर आशिल्लो लोक रक्षेचो करंड घेवन कांसवलेचे वेळेर गेले. विसर्जन जालें, पूण भाशण कोण करतलो? सगले एकामेकाच्या तोंडा कडेन पळोवंक लागले. चौदा वर्सांचो चंद्रकांत केणी एकदम उबो रावलो आनी ताणें कोंकणींतल्यान गांधीचेर भाशण केलें. जांणी तें आयकलें ते हालीं हालीं मेरेन त्या भाशणाची तुस्त करताले."[8]

ह्या साद्या प्रसंगान तांकां कोंकणी कडेन वळपाचो खूब प्रभावीक दिश्टावो जालो. ह्या दिश्टाव्या विशीं ते म्हणटात, "....कोंकणी दिश्टावो त्या प्रसंगाक लागून म्हाका जालो. गोंयांत लोकांकडेन संवाद करतलो जाल्यार तो कोंकणींतल्यानच जावचो पडटलो ही जाणविकाय ते कंवळे पिरायेचेर जाली आनी मागीर अशें दिसलें, हांव जें सोंपेपणान उलोवन गेलों तें दुसरे खंयचेच भाशेंत जमपाचें न्हय. त्या प्रसंगान म्हाका कोंकणीची दिक्षा दिली...."[9] हांगाच तांकां कोंकणीचो पयलो वयलो दिश्टावो जालो अशें म्हणपाक जाता.

## चंद्रकांत केणी आनी मुंबयचो परिवेश.

उपरांत चंद्रकांत केणी मॅट्रिकची परिक्षा दिवंक मुंबय गेले. थंय म्हानगराचें वैभव पळोवन ताचें दोळे दिपकावन वचपाक लागले. पूण मुंबय शारांत दिसभर कानार पडपी परकी भास तांकां परके कडेन आसा हाची जाणीव करून दिताली. आनी हे भावनेक लागून तांचें मन अस्वस्थ जातालें. चंद्रकांत केणींक होम सिकनेस म्हणून जें कितें आसा ताचो अणभव मुंबय शारांत पयले खेप जाणवतालो.

मुंबय शारांत केन्ना रस्त्यान भोंवतना अचकीत कोणूय कोंकणींतल्यान संवाद उलयतना मेळ्ळो जाल्यार ती आपली आवयभास हाची जाणीव जाताली आनी त्या अनवळखी मनशा कडेन चंद्रकांत केणी आपले नातें जोडून बसताले. अशा वेळार तांकां दिसतालें, मदीं तोंड घालून ताका सांगचें, हांव एक गोंयकार आनी म्हाका कोंकणी येता, पूण सभ्यताय आनी संस्कृताय ताचे आड येताली. जाका लागून तांकां तांचें मन मारचें पडटालें. अशे हे भावूक परिस्थिती वेळार जर केन्नाय एका गोंयकाराच्या घरांत पावलो जाल्यार वाळवंटांतले हिरवळीचेर पांय दवरिल्ल्याचो आनंद चंद्रकांत केणींक जातालो. आकाशवाणीच्या मुंबय केंद्राच्यो कार्यावळी आयकून चंद्रकांत केणींचें 'होम सिकनेस' थोडें थोडें निवळटालें. आपूण गोंयकार, म्हजी भास कोंकणी. कोंकणी ही म्हजी आयडेंटिटी, अस्मिताय हाची जाणीव पयलेच खेपे तांकां मुंबय शारांत जाली. फुडें ते रेडियो खातीर बरोवंक लागले. आनी एक दीस ते मुंबय केंद्राच्या कोंकणी विभागांत कामाक लागले.[10]

तेन्ना मुंबय शार म्हळयार कोंकणी चळवळींचें एक केंद्र आसलें. तशेंच कोंकणीच्यो विंगड-विंगड कार्यावळी थंय जाताल्यो. थंय तांकां भौ. रवीन्द्र केळेकार, बाकीबाब बोरकार, लक्ष्मणराव सरदेसाय सारके व्हड कोंकणी मनीस मेळ्ळे तेन्ना चंद्रकांत केणींक दिसलें, भावनेंत शेणिल्लीं नातीं तांकां परत मेळ्ळीं. तशेंच मुंबय शारांत कोंकणी चळवळ तेन्ना वैचारीक बसकां पुरती मर्यादीत आसली. त्या बसकांनी वचपाक तांकां मेकळीक मेळ्ळी.

तशेंच मुंबय आकाशवाणीचेर कोंकणी कार्यावळींचें कार्य करता आसताना तांकां विष्णू नायक, आल्फ्रेड ब्रागांझ, जितेंद्र अभिषेकी, विश्वंभर उजगांवकार, ललिता होनावर (खांडेपारकार) सारक्या कोंकणी मनशांचो सांगात लाबलो.

## <u>आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांचो चंद्रकांत केणींचेर युगीन प्रभाव आणी चंद्रकांत केणींचो दिल्लींत परिवेश.</u>

काकासाहेब कालेलकार म्हळयार दत्तात्रय बाळकृष्ण कालेलकार. ते एक शिक्षक आसले तर दुसरे वटेन एक व्हड पत्रकार, तेच वांगडा ते क्रांतिकारी आसले. ह्या तिनूय मळांचेर तांणी वेगवेगळे प्रयोग केले. एक दीस ते बडोद्याच्या गंगनाथ म्हाविद्यालयांत पावले.

थंय दत्तात्रय बाळकृष्ण कालेलकाराचें काकसाहेब कालेलकार जाले. तशेंच तांकां अध्यात्मीक साधनेची तिव्र ओड लागली. जाका लागून ते हिमालयांत वचून सुमार दोन वर्सां थंय साधवाच्या भेसांत साधना करीत रावले.

उपरांत हिमालयांतल्यान ते नीट रवीन्द्रनाथाच्या शान्तिनिकेतनांत वचून थंय नवो भारत घडोवपाचो आगळो-वेगळो प्रयोग सुरू केलो. उपरांत आचार्य काकासाहेब कालेलकार गांधीजीच्या आश्रमांत येवन रावले ते थंयचेच जावन रावले. भारतीय स्वातंत्र्या खातीर गांधीजीन जितल्योय चळवळी केल्यो तितल्याय चळवळींनी काकासायबांनी वांटो घेतलो. जितले खेपे गांधी बंदखणींत गेल्यात तितलेय खेपे गांधी वांगडा काकासाहेब बंदखणींत गेल्यात. जितलो वावर गांधीजीन केला ताका वेगवेगळ्या तरांनी आचार्य काकासाहेबांनी हातभार लायला.

राजकी मळा वयल्या स्वराज्या वांगडा समाजीक मळा वयलें स्वराज्य, आर्थीक मळा वयलें स्वराज्य, सांस्कृतीक मळा वयलें स्वराज्य हांकां नवो अर्थ तांणी जोडून दिलो आनी एका स्वराज्याचें खातें काकासायबांच्या हातांत दवरलें. आचार्य काकासाहेब कालेलकार ज्या खिणा सावन गांधीजीक मेळ्ळयात त्या खिणा सावन श्याण्णव वर्सांचे पिरायेर ते संवसार सोडून गेल्यात त्या खिणा मेरेन म्हळ्यार सुमार पासस्ट वर्सां काकासायबांनी हें खातें सांबाळिल्लें. काकासायबांच्या ह्या गिन्यानाचो विस्तार पळोवन तांचे एक सांगाती किशोरीलाल मश्रुवाला तांकां भौमानान, 'ज्ञानविधी' म्हणटाले. 'ज्ञानविधी' ह्या उतराचो अर्थ 'एन्साल्को पेडिया' असो जाता. सांस्कृतायेचें एक आंग अशें आसचें ना, जाचेर काकासायबांनी आपणाले खाशेले, 'संस्कार' करूंक नात. भास-शैली, साहित्य-संगीत, कला-धर्म, समाज-अध्यात्म, संस्कृतायेच्या एकान एक आंगान काकासायबांनी खाशेलो विचार केला. काकासायबांच्या स्पर्शान कितलेशेच लोक घडल्यात.

आचार्य काकासाहेब कालेलकार विचार म्हळ्यार स्वराज्य, ते खातीर समाजांतलें ऊंच- उणाकपण वचूंक जाय. धर्माच्या नांवान जो आपलो पयलो वेगळोचार चल्ला तोवूय बंद जावंक जाय, देश संघटीत जावंक जाय, शिक्षीत जावंक जाय, संस्कारी जांवक जाय, देशाक आपले संस्कृतायेचो अभिमान दिसूंक जाय, आचार्य हो आपलो हावेस वेव्हारांत

हाडपा खातीर तरांतरांच्या मळार एक सारके वावुरले. राष्ट्रभाशेच्या प्रचाराचें काम हातांत घेतलें तेन्ना भारतचर्षाच्यो कितल्योशोच भोंवड्यो तांणी केल्यो. उपरांत धर्मसमन्वयाच्या कामांत पडले तेन्ना सगळे धर्म खरे पूण सगळे अर्दकुटे हें गांधीचें मत मुखार करून सगळ्यांनी एकामेकाक समजून घेवन विश्वसामान्यतायेचो वावर करूंक जाय, अशें ते सांगीत भोंवले.

आचार्य काकासाहेब कालेलकार हे एक मराठी मनीस पूण ते गुजराती साहित्यांतले एक सदांकाळ साहित्यीक आसले. ते गुजराती साहित्याक नवें नवें साहित्य दीत रावले. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचें नवें पुस्तक उजवाडाक येतकच ते गुजराती मनशान रोखडेंच व्हेलें आनी वाचतकच बरें कितें वाचिल्ल्याची खोस ताका सदांच मेळत रावली. प्रवासवर्णनां आनी निबंद हे आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचे आवडटे दोन साहित्य प्रकार आसले. जंय जंय गेले थंय न्हंयो पळयल्यो, वेळो-तळीं, घसघशे पळयले, इतिहासीक स्थळां, अभयारण्यां-अरण्यां पळयलीं. जशे देश पळयले, तशींच नक्षत्रां पळयलीं आनी जें जें दोळ्यांतल्यान पळयलें ताची खोस दुसऱ्याक दिवपा खातीर बरयलें. तेंच तांगेलें साहित्य थरलें. ह्या संबंदान ते रवीन्द्रनाथ हांच्या मतां कडेन एकमत आसले. तेवूय म्हणटाले हें निरंतर अनंत आनंद धारा" म्हळ्यार संवसारांत धाय दिको भरून आंनदाच्यो झरी व्हांवतात. आनंदधारेचे जे थेंब तांणी चाखले तेच लोकांचे जिबेर दवरले. तांचेंच साहित्य आयज अज्रवंर जावन बसलां.

"गांधीवादी म्हळ्यार सुतकी असो जो कितें समज तेन्ना लोकांत पातळिल्लो तो फट म्हणपाचें आचार्य काकासाहेब कालेलकारांनी ह्या साहित्या उदेशी दाखोवन दिलां. गांधीवादी कितलो रसीक आसूं येतात हें तांगेलें साहित्य दाखोवन दिता. काकासाहेबांचो हो वावर पळोवन तांकां तांच्याच इश्टांनी 'संस्कृतीक परिव्राजक' म्हूण पदवी दिल्ली. पद्मविभूषण, विद्यावाचस्वती, बी जोडिल्ल्या पदव्यां परस ही पदवी तांकां सगळ्यांत चड सोबताली आनी आवडटाली", अशें ज्ञानपीठ पुरस्कृत भौ. रवीन्द्र केळेकारांनी आपल्या 'काकासाहेब' ह्या लेखांत बरयलां.[11]

ते स्वताच एक 'संस्था' जाल्ले, एक 'आश्रम' जाल्ले. तशेंच चलतें-भोंवतें 'विद्यापीठ' जावन चलताले. चलत्या भोंवत्या विद्यापिठाच्या रूपान ते संवसारभर भोंवूंक

लागले. णव्वद-णव्याण्णव वर्सांची पिराय जायसर भोंवत आसले. हे भोंवडेंत तांणी हजारांनी व्याख्यानां दिलीं. हजारांनी इश्ट जोडले, जाचे जाचे कडेन संबंद आयलो, तांकां आपलेपणाच्या धाग्यान आपणा कडेन जोडले. तांकां चीट बरोवन प्रेरणा दिली. ते ‘मंगल प्रभात’ नांवाचें नेमाळें चलयताले. तातूंत विंगड-विंगड विशयांचेर बरयत रावले. जो जो विद्वान मेळ्ळो ताचे कडेन संभाशणां केलीं. ताचे कडल्यान घेवपा सारकें आशिल्ले तें घेतलें तांकां दिवपा सारकें दिसलें तें दिलें. कितल्याशाच लोकांक तांणी घडयले. तातूंत चंद्रकांत केणी एक आसले.

चंद्रकांत केणी आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांचे लागीं कशे पावले हाजे विशीं रवीन्द्र केळेकार सांगतात, “चंद्रकांत केणींक नोकरी जाय आसलीं, देखून रवीन्द्र केळकारांचे वळखीन तांकां मुंबय आकाशवाणीच्या कोंकणी विभागांत काम मेळ्ळें. विष्णू नायक ह्या विभागाचे मुखेली आसले आनी तातूंत ते कोंकणी नवेंत घडोवपाच्या वावरांत गुल्ल आसले. थंय चंद्रकांत केणींच्या कथांचें वितरण जावपाक लागलें. तातूंत तांणी कथेंत कांय प्रयोग केले. पूण दोन म्हयन्याच्या अदमासांत एक दीस अकस्मात विष्णू नायक रवीन्द्र केळकारां कडेन चंद्रकांत केणींची कागाळ घेवन गेले. तांणी रवीन्द्र केळकारांक विचारलें, कसलो म्हूण मनीस दिला रे तुवें? ताका आपणाल्यो मर्यादा लेगीत खबर नात. लक्ष्मणरावांची एक कथा न्हय रे हाणें परती केली? तरी बरें, रवाना जावचें पयली म्हज्या हातांत पडली. नाजाल्यार घात जावपाचो. जेन्ना रवीन्द्र केळकारांनी हाची चवकशी केली तेन्ना तांकां कितें घडलें तें कळ्ळें तें अशें - विष्णू नायकान चंद्रकांत केणींक लक्ष्मणराव सरदेसायची एक कथा वाचूंक दिली आनी ते कथेचेर ताचें (चंद्रकांत केणीचें) मत दिवपाक सांगलें. तेन्ना चंद्रकांत केणींनी ते कथेचेर अशें मत सांगलें- ही जी कथा आसा ती मराठींतलो एक उक्तो अणकार जावन आसा आनी जी मूळ मराठी कथा आसा ती रेडियोचेर वितरायल्ली. देखून ती परत कर म्हूण सल्लो तांणी नायकाक दिलो. हें स्पश्टिकरण जेन्ना रवीन्द्र केळकारान विष्णू नायकाक दिलें तेन्ना ताचो परिणाम विपरीत जालो, विष्णू नायक चंद्रकांत केणींक भियेवपाक लागले हें रवीन्द्र केळकारांक दिश्टी पडलें. हाचेर उपाय म्हूण एक दोन सप्तकां उपरांत चंद्रकांत केणींक ताणें विचारले, “तुमी आचार्य काकासाहेब कालेलकारां सरीं रावपाक तयार आसात?”. तेन्ना चंद्रकांत केणींनी सरळ जाप ‘हय’ अशी दिल्ली. हे जापेचें

रवीन्द्र केळकारांक सारकें अजाप दिसलें. काम कसलें करचें पडटलें, आपणाक कितें मेळटलें, असले कितें प्रश्न तो तांकां विचारतलो अशें रवीन्द्र केळकारांक दिसलें. पूण आचार्य काकासाहेब कालेलकारां सरीं रावप म्हणल्यार कितें तें चंद्रकांत केणींक कळिल्लें. हें पळोवन रवीद्र केळकारान चंद्रकांत केणींक समजून, - "आचार्य काकासाहेब कालेलकार एक अशे मनीस हाचो तुका अदमास लेगीत आसचो ना. येदे व्हड. म्हऱ्यांत रावल्या उपरांतूच तुका तांचें व्हडपण कळटलें. पूण.... तांचे भोंवतणी जे कोण रावतात ते आमचे असलेच आनी आमचे येदेच. राग, दुस्वास, मत्सर असल्या अवगुणांनी भरिल्ले. तांच्या धोंगां पोंगांची तुका आडखळ जावं येता. तशेंच आचार्य काकासाहेब कालेलकार कांय जोडी-बिडी नात, तांचे कडेन पयशे नात. तुका पगार बिगार मेळपाचो ना." तेन्ना चंद्रकांत केणींनी जाप अशी दिली, "जेवंक खावंक मेळटलें मूं! पुरो, म्हाका तांच्या म्हऱ्यांत पयशे जोडपा खातीर वचपाचें ना.....".[12]

आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासा विशीं चंद्रकांत केणी सांगतात, "मुंबय आसतना हांव आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांच्या संपर्कांत आयलों. मुंबय आकाशवाणीच्या कोंकणी विभागांत काम करता आसतना आचर्य काकासाहेब कालेलकारांनी म्हाका दिल्लीक आपयलो. फाटलो फुडलो विचार करिनासताना हय म्हळें आनी दिल्लीक गेलों. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत (सान्निध्यात) रावप म्हळयार एकद्र्या विद्यापिठांत प्रशिक्षण घेवपा सारको अणभव. ते प्रचंड वाचन करताले. वाचिल्ल्या पुस्तकांची माहिती दिताले. वेगवेगळ्या भासांनी बरयताले. हांव चडसों तांच्या म्हऱ्यांत बसून डिक्टेशन घेतालों. मराठी-इंग्लीश घेवपाक म्हाका त्रास जाय नासले पूण हिंदी येताली तेन्ना तत्सम उतरां आनी दुसरे भाशेंतलीं उतरां म्हाका समजनासलीं. उपरांत गुजराती बरोवन घेवपाचो प्रसंग आयलो. हें काम हांव बरे तरेन करूंक लागलों. तेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकारां कडल्यान हिंदी, मराठी, गुजराती, आनी इंग्लीश ह्या चार भासांनी शुद्ध बरोवपाचें शिक्षण म्हाका मेळ्ळें. खंयचें विद्यापीठ तशे तरेचें प्रशिक्षण म्हाका दिता आसलें? आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचे भाशेचो परिणाम म्हजे भाशेचेर जालो. आचार्य काकासाहेब कालेलकार उतरांचे जादुगार आसले. तांच्या दर एका उतरांत अर्थ लिपून

आशिल्लो तर दुसरे वटेन तांच्या उतरांचीं वेगवेगळीं तासां ते आपल्या बरपांतल्यान उकतायताले. ताका लागून उतराचें मूळ कूळ सोदपाची संवय म्हाका जाली आनी एके भाशेंतलें उतर दुसरे भाशेंत उपकारावचें कशें तें हावें शिकून घेतलें. दिल्लीच्या तरेकवार भासांचे व्हड-श्रेश्ठ बरोवपी, विचारवंत, राजकी फुडारी हांच्यो वळखी जाल्ले खुबशे इश्ट जाले. आचार्य काकासाहेब कालेलकारां वांगडा भारत यात्रा केल्ली."[13]

अशे रितीन चंद्रकांत केणी आचार्य काकासाहेब कालेलकारां कडेन दिल्लीक पावले. आचार्य काकासाहेब कालेलकार हे व्हड साहित्यीक आनी पत्रकार तशेंच ते राष्ट्रवादी आनी गांधीवादी आसले. ह्या चारूय आंगांचो चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तीमत्वाचेर खोल प्रभाव पडलो. तशेंच आचार्य काकासाहेब कालेलकार हे ह्या मताचे की गोंय हो एक स्वतंत्र प्रदेश आनी कोंकणी ही तिची राजभास जावपाक जाय. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत तांचो वेगळ्या वेगळ्या क्षेत्रांतल्या वेगवेगळ्या व्यक्तीं कडेन संपर्क जुळपाक लागलो. आचार्य काकासाहेब कालेलकार हिंदी भाशेचो प्रचार-प्रसार करताले ताचो लेगीत चंद्रकांत केणींचेर खूब प्रभाव पडलो.

चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तितत्वा विशीं उलयता आसतना अ. ना. म्हांबरे म्हणटात, "तागेलें व्यक्तितत्व खरें फुल्लें तें दिल्लीक काकासाहेबां सारक्या गडगंज विद्वानाच्या सहवासांत रावन. ताका खूबशा विशयांचें गिन्यान आपशींच मेळ्ळें. विशय कसो समजून घेवचो, मनन, चिंतन कशें करचें हाची दिक्षा ताका काकासायबान दिली. असल्या मनशा म्हऱ्यांत रावतकीच वाचन बी करचें पडना. पूण काकासायबाक वाचनाची खूब आवड. ताका लागून तरेकवार साहित्य चंद्रकांताक वाचूंक मेळटालें. काकसायब आपलें साहित्य डिक्टेट करताले. तें तो बरोवन घेतलो. तातूंतल्यान तो आपलेंय साहित्य डिक्टेट करूंक शिकलो".[14]

आचार्य काकासाहेब कालेलकारांक कोंकणी विशीं आपुलकी आसली. कोंकणी विशीं उलयता आसतना काकासाहेब कालेलकार म्हणटाले, "कोंकणी इतली मधूर भाशा आसा. मर्णाचा वेळार जर ते भाशेचे स्वर म्हज्या कानाचेर पडले जाल्यार हांव मरपाक विसरतलों."[15] देखून दिल्लीक आसतना चंद्रकांत केणी कोंकणीच्या ध्यासान पुराय भारावन

गेल्ले. दिल्लीक जंय जंय कोंकणीची प्रवृती चलताली वा जो जो कोंकणी बरयतालो ताचे कडेन आपलें नातें आसा अशी भावना तांच्या मनांत निर्माण जाली. हे विशीं चंद्रकांत केणी म्हणटात, “जेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सान्निध्याची जोड मेळ्ळी तेन्ना कोंकणीचें पिशें म्हजे मानगुटेर बसलें. हांवें कोंकणीखातीर कितें तरी करूंक जाय. गोंयचें स्वातंत्र्य म्हाका गौण दिसतालें. कित्याक कोण जाणा. कोंकणी उरली जाल्यार गोंय आपसूक स्वतंत्र जातलें अशें म्हाका दिसतालें. गोंयच्या स्वातंत्र्याची म्हाकाय उमळशीक आसली. भारत सरकाराच्या विदेश मंत्रालयाच्या हांव संपर्कांत आसलों. ‘गोवा समाचार केंद्रय’ चलयतालों. दिल्लींतल्या साहित्यीक आनी संस्कृतीक वर्तुळांत म्हाका प्रवेश मेळिल्लो. पूण ध्यानी-मनी-स्वप्नी म्हाका कोंकणीच्या उद्धाराची तळमळ लागिल्ली. आनी हांव हिंदींतल्यान कथा बरोवन ‘कोंकणी से अनुवादित’ अशी टीप जोडून त्यो उजवाडायतालों. कोंकणीची जायरात केल्ल्याचो आंनद म्हाका मेळटालो.” ह्या अशा पिशेपणा विशीं जर कोणें विचारलें जाल्यार ते समर्थन करताले आनी म्हणटाले “आपले भाशेखातीर वावुरपाचें भाग्य सगळ्यांकूच मेळना. आपले आवयचो विजनवास सोंपोवन तिच्या हक्काच्या घरांत मनाचें स्थान दिवपाचें हें पुण्यकार्य.”[16]

आपल्या जिविताचेर प्रभाव घालपी व्यक्ती कोण जाल्यार ते काकासाहेब कालेलकार अशें चंद्रकांत केणी म्हणटात.[17]

त्या अदमासाक दिल्लीक आसतना चंद्रकांत केणीन फ्रँच आफोंस दोदे हाची एक कथा वाचली. ते कथेचो तांचेर परिणाम आनी प्रभाव जालो. ही कथा साद्या वातावरणाचेर आदारीत आसा, फ्रान्साचेर आक्रमण जाले उपरांत जर्मन अधिसप्रेन एक फर्माण काडलें- त्या फर्माणान फ्रँच भाशेचेर बंदी. तशेंच शाळांनी फ्रँच शिकोवपाचेर बंदी असो आदेश आसलो. हे कथेचें नांव ‘ल देरनियाए लेसाँ’. ही कथा एके फ्रँच मुळावे शाळेंतल्या एका वर्गांत घडटा. त्या वर्गांत एक जाणटेलो शिक्षक आसता. ताचो ते शाळेंतलो तो निमणो दीस आसता. त्या दिसा ताणें गांवच्या सगळ्या लोकांची एक सभा आपयल्ली आसता. सगळो गांव ते सभेक आयिल्लो आसता. स्कुलाच्या एक वर्गांत ती सभा आसता. जर्मनीन फ्रान्साक झुजांत हरयिल्ल्याची लज आनी फाल्याच्यान आपली आवयभास शिकूंक मेळचिना,

उलोवंक मेळचिना म्हणपाची खंत थंय आशिल्ल्या जण एकल्याच्या तोंडार दिसताली. वातावरण शांत गंभीर आसलें. पूण कथेचो निवेदक जाका म्हणू येता असो एक विद्यार्थी जो सदांच उसरा येता. तो त्या दिसा लेगीत उसरा येता. तो उसरा येयला म्हूण शिक्षक ताका दाटायतालो. तोच शिक्षक ताका पळोवन म्हणटा, "आयज तूं उसरां आयलो!" आनी खंतिचो एक सुस्कारो सोडून ताका बस म्हणटा. उपरांत शिक्षक सद्गदीत आवजान भाशण सुरू करता - आज हे शाळेचो आनी म्हज्या शिकोवपाचो निमाणो दीस. फाल्यांच्यान फ्रेंच भास शिकोवपाचेर बंदी आसतली. पूण भावांनो आनी भयणिंनो, एक गजाल मतींत धरात. आज जर्मन लोकांनी लस्कराच्या बळाचेर फ्रान्स देश जिखून घेतलो जातलो. पूण फाल्यां आमचें बळगें वाडटलें तेन्ना फ्रान्स देश परत स्वंतत्र जातलो. आयज तिच्या घरांतूच आमचें आवयभाशेचेर राजकर्त्यांनी बंदी घाल्ली आसा. पूण तुमी आवयभाशेक विसरूंक फावना. तिचो तुमी सांबाळ करात. तिका अंतर दिवं नाकात. गेल्ले स्वतंत्र परत मेळूं येता. पूण एके खेपे वागडायिल्ली भास केन्नाच परत येना. राजकी बंदेपण केन्ना तरी सोंपतलें. पूण एके खेपे संस्कृतीक बंदेपण वांट्याक आयलें जाल्यार तुमकां कोणच स्वतंत्र करूंक पावचोना. होच म्हजो निमणो पाठ!. कथा हांगा सोंपता. हे कथेचो तांचेर खूब व्हडलो प्रभाव पडलो. ते हे कथे संबंदात उलयता आसतना म्हणटात, "दिल्लीच्या वातावरणांत ही कथा म्हाका रातीच्या काळखांत दिका दाखयतल्या ध्रुव ताऱ्यासारकी दिसली. आयज लेगीत ते कथेचो उगडास जाता तेन्ना म्हजें मन भरून येता."[18]

## कोंकणी युगीन परिवेश.

गोंय मुक्त जातांच, गोंयांत वाद सुरू जाल्यात. ह्या वादाचो मुखेल केंद्र बिंदू आसलो गोंय आनी कोंकणी भास. हो वाद खऱ्या अर्थान गोंयचे मुक्ती उपरांत उबो जालो. तेन्ना कोंकणी भाशेक आनी प्रदेशाक मानाचे पाट दिवपाक कितल्याशाच गोंयकारांचो हातभार लागला, तातूंत मुखेलपणान चंद्रकांत केणी एक. ह्या तांच्या वावराचो पुराय नियाळ मतींत घेवन भौ. रवीन्द्र केळकार म्हणटात, "जिका लिपी ना, व्याकरण ना, जिच्यांत साहित्य ना म्हूण व्हडले व्हडले बुदंवत हिणयत आयिल्ले, ते कोंकणी भाशेक गोंयच्या आनी राष्ट्राच्या जिवितांत जी सुवात आयज मेळळ्या, ती तिका कशी मेळूंक पावली, हाचो इतिहास कोणूय

बरोवंक बसलो जाल्यार पाना पानार चंद्रकांताचें नांव घेतले बगर ताका तो बरोवंक येवपाचो ना. फाटल्या तीस-बत्तीस वर्सांच्या काळांत चंद्रकांताचे इत्शे बगर कोंकणी चळवळीच्या झाडाचें एक पान लेगीत हालूंक ना".[19]

ह्या एका विधानांत चंद्रकांत केणींचे कार्य कितलें व्हड हाजें स्पश्ट रूप दिसता. चंद्रकांत केणींनी कोंकणी भास आनी कोंकणी प्रदेशा खातीर केल्लो वावर म्हळयार सोदवावरचो एक मेकळो विशय - लांब रूंद विशय, तो हांगा कांय वेंचीक मुद्यांनी मांडला.

तांचो कोंकणी विशयाचो मोग, कोंकणी विशयांत योगदान पळोवन नारायण मावजो अशें म्हणटात, "कोंकणी खातीर चंद्रकांतबाबांचें खूब मोलाचें योगदान आसा. कोंकणी खातीर जें तांणी केलां ताका सुमार ना. दीस-रात ते कोंकणी खातीर वावुरले. ओपिनीयन पोलावेळार तांणी जें काम केलां तें खुबूच म्हत्वाचें. ताचे संपर्क बरे आसले. त्या वेळार व्हड उद्देजक जशे साळगांवकार, तिंबलो, धेंपो हांकां कोंकणी कडेन वळोवपाचें काम तांणी केलें. खूब भुरगे तयार केले. तांकां जाय तो पालव दिलो."[20]

स्वातंत्र्य सैनीक आनी साहित्यीक नागेश करमली हे चंद्रकांत केणींच्या कोंकणी कार्या विशीं उलयता आसताना अशें म्हणटात, "चंद्रकांत केणीबाब कोंकणी चळवळींतलें एक व्हड कतृत्वी मनीस."[21]

हे कोंकणी सेवे विशीं चंद्रकांत केणी सांगतात, "मातृभुमी आनी मातृभाशा अडचणींत आशिल्ली, त्या वेळार सेवा करपाक मेळ्ळी हें आमचे पिळगेचें भाग्य."[22]

## गोंय, कोंकणी भास, प्रदेश आनी युगीन परिवेश.

गोंय मुक्त जाताच गोंयात एक वाद सुरू जालो, तातूंत गोंय स्वतंत्र संघप्रदेश आनी कोंकणी ताची राजभास तर गोंय महाराष्ट्रांत विलिनीकरण, ह्या मुद्द्याचेर आदारीत आसलो.

"म्हज्या मतान ह्या वादाचे (कोंकणी मराठी वाद) जनक शणै गोंयबाब आसात"- अशें प्रफुल्ल प्रियोळकार मानतात.[23]

"कोंकणी हो म्हाका वादाचो प्रस्न दिसना, तो एक 'vital problem' दिसता", अशें प्रा. लक्षमणराव सरदेसाय सांगतात.[24]

गोंय मुक्ती उपरांत भौसान पुर्तुगेझांचे राजवटिचो सूड घेवपाच्या निश्चयान भारतीय राष्ट्रवादाचो मार्ग महाराष्ट्रवादांत आसपावला अशी भुमिका तेन्ना घेतली. खुबशा इतिहासकालीन कारणांची पुनरावृत्ती जायत हे भिरांतेन आनी खुबशा अतिरेकी अज्ञानांतल्यान तर्कच उरफाटो आसलो. तातूंत गोंय महाराष्ट्रांत गेले बगर सुरक्षीत उरचें ना. हांगा राष्ट्रवाद पाळां-मुळां धरूक पावचो ना. तरी लेगीत महाराष्ट्रांत व्हरपाचो मूळ आदार कितें? हो प्रस्न जेन्ना मुखार आयलो तेन्ना भाशेचो आदार घेवचो पडलो. तेन्ना गोंयांत कोंकणी-मराठी वाद सुरू जालो. कोंकणी ही मराठीची बोली आनी मराठी ही महाराष्ट्राची भास देखून गोंय महाराष्ट्रांत घालुंकूच जाय. ते मेरेन कोंकणी-मराठी वाद साहित्य व्यसपिठावेलो वा विद्वानांचो भासशास्त्र वा भासविज्ञाना वयलो बौध्दिक वाद आसलो पूण ह्या काळांत तो भौशिक जावन बसलो. ह्या भौशिकवाद संबंदात उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “जाका ‘ब’चें पोट फोडूंक येना असो मनीस लेगीत कोंकणीचें मराठीकडलें नातें आड्डून सांगूंक लागलो”.[25]

ह्या वादाक लागून कोंकणी भाशेच्या जाल्ल्या हाल उपाद्र्या वशीं उलयता आसतना पाडूरंग भांगी म्हणटात, “संवसारांतले खंयचेच भाशेक अशे हाल उपाद्रे काडचे पडूंक नात. अशे वळवळे सोंसचे पडूंक नात. गोंयांत कोंकणीच्या मूळ पिठांतूच, तिका वनवास भोगचो पडलो. तिका केंडून केंडून आमी कुशीक उडयली. बोंदरां फाळ्यांनी तिका आपली लज राखची पडली. आपल्या हक्का खातीर तिका दीस रात झुजचें पडलें.”[26]

कोंकणी-मराठी वाद हो निखटो भाशीक वाद नासलो. कोंकणी स्वंतत्र भास आसा कांय ना हो मुद्दो वेगळो आसलो, पूण खरो वादाचो मुद्दो होच आसलो की, गोंय मुक्ती उपरांत गोंय स्वतंत्र संघप्रदेश उरचो कांय तें महाराष्ट्रांत विलीन करप. ह्या प्रश्नान वादाचो प्रस्न उप्रासलो. देखून गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करपा खातीर गोंयची भास मराठी म्हूण सिद्ध करप गरजेचें आसलें. तर गोंय संघप्रदेश उरपा खातीर गोंयची भास कोंकणी म्हूण सिद्ध करप गरजेचें थारलें. आनी वाद फुडें गेलो. “कोंकणीक जो विरोध जालो तो राजकीय स्वरूपाचोच आसलो. कोंकणीची जी चळवळ चलताली ती राजकीय स्वरूपाचीच आसली, हें न्हकारपाक अर्थ ना”, अशें रवीन्द्र केळकार म्हणटात.[27]

गोंय मुक्त जाल्या बराबर रोखडीच महाराष्ट्रांतली तेन्ना जैतवंत थारिल्ली 'एकीकरण' ही चळवळ विलिनीकरण हें नवें नांव घेवन गोंयांत रिगली. 'झांलच *पाहिजे*' हो हे चळवळीचो नारो आसलो. ह्या नाऱ्या भितर जबरदस्ती आसली. गोंयकारांच्या मनांत कितें आसा हाची तांकां पर्वा नासली, जें जावंचें अशें तांकां दिसतालें, तेंच जावंक जाय. 'झालाच *पाहिजे*' हो तांचो एके तरेचो हट्ट आसलो. ह्या त्या वेळाच्या विस्तारवादी नेत्या मदीं आचार्य प्रल्हाद केशव अत्रे, बाळ ठाकरे, जॉर्ज फर्नांडिस, जगन्नाथ जोशी, एस. एस. जोशी, वसंत बापट, लक्ष्मण शास्त्री जोशी ह्या सारके कांय म्हालगडे हे चळवळींत आसपावताले. ह्या म्हालगड्यांनी महाराष्ट्र एकीकरण समिती ह्या नांवाची संघटना स्थापन केली आनी संयुक्त महाराष्ट्राची निर्मिती ही तांच्यानी आपली मोख दवरली. हातूंत मुंबय, गोवा, कारवार, बेळगांव सयुक्त महाराष्ट्र 'झालाच *पाहिजे*' ही तांची मुखेल मागणी आसली. आनी गोंय मुक्ती उपरांत सोमतोच हो 'झालाच *पाहीजे*' हो वाद गोंयांत भितर घुसपलो. 1961 सावन ते 1967 मेरेन म्हळ्यार 'ओपिनीयन पोल' सोपसर 'स' वर्सां समेस्त गोंयकारांक ह्या नसत्या वादाक दवरले. 'झालाच *पहिजे*' ह्या आत्यंतीक घोशवाक्यांत महाराष्ट्रवादाची मनोवृत्ती सांठयल्ली आसून, ताचो मंत्रतंत्रय तातूंत प्रकट जातालो. "विलिनीकरण हो मंत्र तर आक्रमण हें तंत्र. मंत्र लाचारेचो तर तंत्र गर्जनेचो" अशें प्रा. लक्षमणराव सरदेसाय म्हणटात.[28]

गोंय मुक्ती उपरांतचें चित्र चंद्रकांत केणी अशें दितात. "1962 वर्सांचें चित्र पळयात. तेन्ना गोंयच्या राजकारणाचेर कोंकणी-मराठी भाशावादाचो प्रभाव पडलो अशें दिसतालें. पूण खरेपणी तो प्रभाव भाशेचो आसलो? मोठ्या आवाजांत एक गर्जना कानार पडटाली. 'कोंकणी ही मराठीची बोली. देखून गोंयची भास मराठी! गोंय हो मराठी भाशीक प्रदेश. तो महाराष्ट्रांत विलीन जांवक जाय! अशी 'गर्जना करपी आपणांक गोंयच्या हिंदू भौजन समाजाचें प्रतिनिधी मानताले. तांचे फाटल्यान आख्खो महाराष्ट्र उबो आसलो. लोकांचें हरशीं एकमेकाकडेन पटना पूण गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावंक जाय हे विशीं तांचें एकमत आसलें."[29]

गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावचें अशी एका आवाजांत मागणी करताले आनी केंद्र सरकाराचें धोरण तांकां थातारून धरपाचें दिसतालें. अशा वातावरणांत कोंकणीचो पाखो

घेवपाची कोंग्रेसींत उरलेनात जाल्यार कसले तरेची संकटां येवं येतात हाचो अदमास तेन्ना चंद्रकांत केणी हेर कोंकणीवादी वांगड्या वांगडा काडटाले. अशा वेळार गोंयांत राजकी फुडार आनी कोंकणी भाशे विशींची संदिग्ध भुमिका ह्या दोन प्रस्नांचेर कोंग्रेसी कडेन मतभेद दवरुनूय कोंग्रेसीच्या बावट्याखाला रावप हें एक शाणेपण तेन्ना चंद्रकांत केणींक आनी तांच्या वांगड्यांक दिसलें. गोंय मुक्ती उपरांत गोंयचें राजकारण कशें आसलें हे विशीं चंद्रकांत केणी आपल्या एका लेखांत बरयतात, “आमची मदार आशिल्ली किरिस्तांव समाजाचेर. त्या वेळार गोंयच्या समाजात ते 40 टक्के आसताले. तांकां जागयले. पूण आपणाक कोणूय अराष्ट्रीय म्हणत हे भिरांतेन ते तोंड धांपून भितोडेक राविल्ले. हो भितोडेक राविल्लो समाज जे मेरेन रस्त्यार येवचो ना, आपल्या काळजांतले उमाळे उतरांनी उलोवन दाखोवचो ना. ते मेरेन महाराष्ट्रवादांच्या आक्रमणा आड झुजपाचें बळ आमच्यांत येवचेंना इतलें आमी पारखिल्लें. आमी वावराक लागले.” फुडें गोंयच्या राजकी परिस्थिती विशीं सांगता आसताना ते ह्या लेखांत बरयतात, “वेंचणुकांचे नगारे वाजूंक लागचे आदींच एकचार सभांच्या जैताक लागून वगडायिल्लो आवाज परत मेळयिल्ल्या किरिस्तांव समाजान ‘युनायटेड गोवन्स’ नांवाचो एक पक्ष स्थापन केलो. ह्या पक्षाचें धोरण आमकां खुबूच लागींचें आसलें. आयज गोंयचें घटक राज्य आनी फाल्यां कोंकणी राज्य अशी घोशणां त्या पक्षान दिल्ली. पूण त्या पक्षाच्या जाळवणदारांची आपल्या बळग्या विशीं भ्रामक कल्पना आसली. आंकड्यांचे गणीत आमी तांकां समजावपाचो यत्न केलो. चाळीस टक्के किरिस्तांव मतदार तुमच्या पक्षाकडेन एकनिष्ठ रावले जाल्यार लेगीत तुमकां बारा जागे मेळूं येतात. पूण कोंग्रेसीच्या पालवान 16 जागे जिखप कठीण वच्चें ना. कोंग्रेसीकडेन तडजोड केली जाल्यार दोनय पक्षांच्या फायद्याचें जातलें. पूण आपल्याक कुशीक काडपाचो हो कट असो दुबाव घेवन युगोच्या जाळवणदारांनी प्रतिसाद दिलो ना.” अशें तरेचे राजकारणी वातावरण त्या काळांत आसलें हाजें चित्र चंद्रकांत केंणी ह्या लेखांत उकतें करतात.[30]

तर दुसऱ्या वांट्यांत कोंग्रेसीच्या जाळवणदारांक कोंग्रेसी विशीं सुमारा भायर आत्मविश्वास दिसतालो. कांय कोंग्रेसीच्या जाळवणदारांक अशें दिसताले की एखाद्र्या फातराक शेंदूर लावन कोंग्रेसीचो उमेदवार म्हणून उबो केलो जाल्यार तो सहज जिखून येतलो. हें मत गोंयच्या वातावरणा कडेन मेळ घालिना हें तेन्ना चंद्रकांत केणीक आनी हेर

फुडाऱ्यांक समजतालें. तेन्ना चंद्रकांत केणींनी थारायलें, कोंग्रेस पक्ष गोंयांत बुडटलोच पूण तो केद्रांत सत्तेर उरतलो देखून कोंग्रेसी सांगताना रावप गोंयच्या हिताचें जातालें आनी तांच्यानी तशेंच केलें.

दुसरे वटेन महाराष्ट्रांतल्या राजकी फुडऱ्यांच्या नेतृत्वा खाला 'महाराष्ट्र गोंमन्तक पक्ष' (म.गो.प) हो पक्ष स्थापन केलो. ह्या पक्षा विशीं उलयता आसतना पुरूषोत्तम काकोडकार अशें सांगतात, "दुर्देवान या संदेचें म्हत्व गोंयच्या लोकांक आकलन जालें ना. म्हणूनच कांय लोक 'पर-प्रत्यय-नेय-बुध्दी' जावन 'अल्पहेतोर्बहुहातुं' तयार जाले आनी पुण्याच्या सर्किट हावसांत जल्माक आयिल्लो 'महाराष्ट्रवादी गोमंतक' घेवन गोंयांत आयले. त्या वेळार तो 'महाराष्ट्रवादी गोमंतक' पक्ष म्हूणन नाशिल्लो, ती एक आघाडी कशी आशिल्ली. गोंयाक महाराष्ट्रांत घालपाची घोषणा करपाची. ती घोषणा अशीं : 'गोंय *महाराष्ट्रांत विलीन झालेच पाहिजे'* .....".[31]

म. गो. पक्षा कडेन कसलीच संघटना नासली. तशेंच पक्षाच्या फुडाऱ्यां मदीं शिस्तय नासली. आपल्या पक्षाक वेंचणूकेंत जैत मेळत हें तांकां सपनांत लेगीत दिसूंक नासलें. निकाल अपेक्षे प्रमाण लेगीत दिसूंक नासलो. निकाल अपेक्षे प्रमाण लागलो तो गोंयच्या प्रादेशीक पक्ष म. गो. वटेन 16 जागे आनी यु. गो. 12 जागे मेळ्ळे तर कोंग्रेस पुराय हारलो. पूण हो कौल भाशे खातीर नासलो वा गोंयच्या राजकी फुडाराखातीर नासलो. गोंयच्या इतिहासांत पुर्तुगेझ राजवटींत हिंदूंच्या वांट्याक अपमानाची जी जीण आयिल्ली, ताचो सूड घेवपाक हिंदू संघटीत जालो (महाराष्ट्र गोमन्तक पक्ष). तर स्वंतत्र गोंयांत अल्पसंख्यांक जमात संघटीत रावली जाल्यार आपली राखण करूंक पावतली ह्या विचारान किरिस्तांव मतदार यु. गो. च्या बावट्याखाला एकठांय रावले.

पूण वेंचणुकेचो निकाल लागल्या उपरांत महाराष्ट्रवाद्यांक आडेचो नेट आयलो. गोंयच्या लोकांनी विलीनीकरणा खातीर कौल दिला अशें मराठीवादी तेन्ना व्हडा-व्हडान सागूंक लागले आनी महाराष्ट्रान सरकारूय केंद्राचेर दडपण हाडूंक लागलें. गोंय महाराष्ट्र विलीन करप ह्या वावराक म. गो. सारके नेट करीत रावले तर गोंय स्वतंत्र संघटीत प्रदेश

रावचो म्हूण कोंकणीवादी वावराक लागले. कारण ताका समज आसलो जरी गोंय वेगळें उरिल्लें जाल्यार ताचें हीत, कशें जातलें हाची जाणीव आसली. हे विशीं पांडुरंग तिंबले म्हणटात, "ओपिनियन पोलांत गोंयकारांनी वेगळे गोंयचे वटेन कौल दिल्ल्यान गोंयान हितच जालें, हातूंत दुबावूच ना. खंयच्याच राज्यांत गोंयचें विलिनीकरण करनासतना तो वेगळो घटक म्हूण दवरलो तरच ताची उदरगत जातली आनी आपलो राजकारबार आपणें चलोवपाची संद गोंयकारांक मेळटली हाची आमकां जाणीव आशिल्ली. म्हणूनच आमी वेगळ्या गोंयचों पुरस्कार केलो".[32]

वावराची संद मराठीवाद्यांनीय घेवन पणजे गोमंतक मराठी साहित्य संमेलन घडोवन हाडलें आनी त्या संमेलनाक कांय मराठी लेखकांक आनी राजकारण्यांक आपोवन हाडले. थंय कोंकणी मराठीची बोली देखून गोंय महाराष्ट्रांत वचूंक जाय हो थराव घेतलो. भाशणांनी वेगवेगळे सूर आयले. तातूंत बाकीबाबांच्या नांवान शिगमो जालो. "बाकीबाबाक मांडवींत धुकलून उडोवचो. घराचे कुडिचो हुमरो हुप्पाची मेकळीक कोंकणीक दिवंची न्हय....." कांय स्वाभिमानी कोंकणी भक्तांनी थरावाक विरोध केलो. तांकां उलोवपाक दिले नात. तांच्यानी सभेचो त्याग केलो. "खरेपणानशी ते शें-सवायशें जाण आसिल्ले. जेन्ना ते वॉक आवट करून संमेलनांतले भातार सरले. तेन्ना "जाऊ *द्या त्यांना..... केवळ अकरा जण होते...... मी मोजलेंले आहोत*' अशें काका गाडगीळांनी म्हळें. सभाव्याक केल्ल्या त्यागा मर्दी फकत इकरा जाण आसले हें पळोवन संमेलनाच्या जाळवणदारांक अशें म्हळें की गोंयांत फकत इकरा जाणांक कोंकणी जाय हेरांक सगळ्याक कोंकणी नाका. तें आयकून थंय हाजीर आसल्या लोकांनी ताळ्यो मरल्ल्यो, थाराव पास जालो. रवीन्द्र केळकारान ही घडिल्ली खबर बाकीबाबाक सांगली तेन्ना तांणी म्हळें, "आमी इकराजाण आसात ते खूब जाले ख्रिस्ताचे बारा शिश्य आसले. तातूंत एकलो 'ट्रेटर' विश्वास घातकी आसलो. आमच्यात कोण ट्रेटर ना. कविता उरता एक नवी आशा दिवपा सारकी" अशें रवीन्द्र केळेकार म्हणटात.[33]

हे घटणुकेंचेर आमी इकरा जाण म्हूण मनोहरराय सरदेसायान एक सोबीत कवन केला. ह्या कवनांतल्यो चार वळीं-

"गोंयचे इकरा म्हाल सान
थंयचे आमी इकरा जाण
जाण्टे पुणून तरणे आमी
लाल भुंयेचे राखणे आमी
संवसारांत राखतले गा
हिचो व्हडलो मान
आमी इकरा जाण.....
.........................
"जैत जोडून दितले आमी
पडलो जरी प्राण
आमी इकरा जाण."[34]

ह्या संबंदात चंद्रकांत केणी आनीक एके घडणुकेचो उगडास करतात. कोंकणी भाशेचे कट्टर विरोधक लेगीत कोंकणीवाद्यांचेर मोग करपी आसले अशें ते म्हणटात. हें सांगतना ते एक देख दितात. चंद्रकांत केणीचो एक इश्ट आसलो, जो चंद्रकांत केणी वांगडा सदांच झगडटालो आनी कोंकणी आड वाद घालतालो. ताणें मराठी संमेलनांत अत्रेचें भाशण आयकल्लें, *'बोरकरांना गोव्यातून हाकलून द्या. ह्याना मांडवीत फेकून द्या.'* हें आयकून त्या चंद्रकांत केणींच्या इश्टाक भयंकर राग आयलो. सामको थाथ मारून तो उबो रावलो, पूण तोंडांतल्यान उतरां आयलीं नात देखून हाजार लोक वयर बसून रावलो. कितें करूं आनी कितें नाका अशें ताका जालें. देखून जेन्ना तो इश्ट चंद्रकांत केणींक मेळ्ळो तेन्ना तो तांकां सांगपाक लागलो, "कितें आमचे नालायक लोक. कोंकणी मराठी वाद बरो आसा. तातूंत मदीं बोरकार कित्याक? हो बोरकारांक भायर मारात म्हणटा म्हळ्यार कितें"[35]

पूण जे कोंकणी वाद भायर सरले तें कोंकणी खातीर नवो निश्चय करून गेले. तांच्यानी सभा घेतल्यो. सुरवातेक पांच-पंचवीस लोक येताले. तांचो आंकडो फुडें-फुडें वाडपाक लागले आनी गर्दे वांगडा कोंकणी आवाज गाजूंक लागलो. हिंदू किरिस्तांव समाज सामान्यां भायर येवन उलोवपाक लागलो. आनी ह्या वेळार वादांत एक वेगळें स्वरूप

दिसलें. गोंयची भौशीक जीण इतिहासांत पयलेच खेपे वेगळे तरेन उचांबळ जाल्ली पळोवंक मेळ्ळी. हे भाशीक चळवळीचो परिणाम राजकी मळाचेर जालो. गोंयाक संघप्रदेशाचो दर्जो केंद्र सरकारान आनी गोंयाक सघंप्रदेशांत दमण आनी दिवाचो आसपाव करचो आनी 38 वांगडयाची विधानसभा वेंचून काडपाची तजवीज आसची अशीं मागणी केंद्र सरकार ह्या नात्यान सत्तेच्या आसनाचेर आपलो हक्क आसा अशा भ्रमांत काँग्रेस फुडारी आसले. तातूंत काँग्रेसी मर्दी दोन विचारसरणी समांतर आसल्यो, जशें कोंकणीचो पांखो घेवपी लोक आसले तेंच तरेन मराठीचो पाखो घेवपीय लोक आसले. काँग्रेस स्पश्ट भुमिका घेवची ना आनी कोंकणीवादी त्रासांत पडटले असो विचार तेन्ना कोंकणीवाद्यांक जालो, देखून काँग्रेस हो केंद्रांत सत्तेर आशिल्लो पक्ष. ह्या नव्या पक्षाचो सांगात सोडप म्हळ्यार आत्मघातकीपणाचें जायत अशें तेन्ना कोंकणीवाद्यांक कळ्ळें. हांगा चंद्रकांत केणी म्हणटात, “काँग्रेसचो आमी सांगात सोडल्यार काँग्रेस पक्ष मराठीवाद्यांच्या हातांत पावतलो अशी भिरांत आसली. तातूंत महाराष्ट्र राज्यांतले सगळे राजकी पक्ष मराठीचो पाखो घेवन गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करपाचो दावो करता आसले. हो भंय आसलो. देखून काँग्रेसी वांगडा रावप खूब गरजेचें थारलें.[36]

आचार्य काकासाहेब कालेलकार ह्या व्हड मराठी मनशान कोंकणी-मराठी वादा वेळार कोंकणीचो पाखो घेवन ते कोंकणी मनशा वांगडा उबे रावले. गोंयाक स्वतंत्र अस्मिताय आनी संस्कृताय आसा आनी गोंयची कोंकणी आवय भास, जी एक स्वतंत्र भास आसून ती मराठीची बोली न्हय. कोंकणी भाशेचो तिचो खाशेलो मोग आनी कोंकणीवाद्यांचे ते एक बरे मार्गदर्शक थारले. 1957 वर्सा मुंबय हांगा भरिल्ल्या सव्या अखील भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेचे माचये वयल्यान मुखेल सोयरे ह्या नात्यान तांणी उलयतना म्हळें, “कोंकणी ही एक स्वतंत्र भास आसा आनी गोंय मुक्त जातकीच ती गोंयची राजभास जावंक जाय.”[37]

आचार्य काकासाहेब कालेलकारां विशीं रवीन्द्र केळेकार एक खबर सांगतात ती अशी, महाराष्ट्रांतले नामनेचे साहित्यीक ग. त्र्यं. माडखोलकर हांचें मत आसलें की महाराष्ट्रांत कोंकणीक बिनशर्त मान्यताय दिवपाची, अशें केल्यार गोंय महाराष्ट्रांत विलीन

करपाक व्हडलोसो विरोध जावचो ना. हो विचार तांणी बेळगांव जाल्ल्या मराठी संमेलनांत केलो. तेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकार स्वतंत्र गोंयकारा वांगडा आसले. ग. त्र्यं. माडखोलकरांच्या ह्या प्रस्तावा संबंदान कांय जाण आचार्य काकासाहेब कालेलकारांक वचून मेळ्ळे. तेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकारांनी तांकां सांगले, आपूण तांचें कडेन उलोवपाचो प्रयत्न करतां. ह्याच प्रस्तावाचो एक वांटो म्हूण एक करार करपाचो थारलो. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांनी हो करार डिक्टेड केलो आनी तो लक्ष्मण शास्त्रीन बरोवन काडलो. हो काररनामो घेवन हे फुडारी यशवंतराव चव्हाणांक मेळ्ळे. मदल्यामदीं 'महाराष्ट्र टायम्सान' ह्या कराराची बातमी फोडली. असो करार जाता म्हूण कळ्ळे उपरांत द. ब. बांदोडकार आनी एस. एस. प्रभू मुंबय गेले. तेन्ना यशवंतराव चव्हाणान तांकां म्हळें, 'कित्याक तुमी त्या कोंकणीवाद्यांक भीक घालतात? तेच आसात पयलीं इन-मीन-तीन. तांतलो एक बोरये बसला (बाकीबाब बोरकार), एकलो प्रियोळ झेमता (रवीन्द्र केळकार) आनी तिसरो मडगांव (चंद्रकांत केणी) आसा. हे तीन सोडल्यार बाकीचे सगले आमचे वटेन आसात'. उपरांत हो सगळो बेत रद्द करचो पडलो.[38]

त्या वेळार कोंकणीचो पाखो घेवप तितलें सोंपें नासलें. कोंकणीचो तिरस्कार करतात हे पुर्तुगेज धार्जिणे, अराष्ट्रीय वृत्तीचे लोक असोय आरोप जावंक लागलो. ह्या आरोपाक महाराष्ट्रांतल्यान मराठी खबरापत्रांनी प्रसिद्धी मेळूंक लागली. छापिल्लें उतर हें वेदवाक्य मानपी लोक कोंकणीवाद्यां कडेन दुबावान पळोवपाक लागले. उमेद वाडपा सारकी परिस्थिती नासली. रस्त्यार भोंवतना लोक बोटां दाखोवन 'हो... तो कोंकणीवादी', म्हणून फकांडां उडोवपाक लागले. तशेंच त्या काळार वातावरण खुबूच दुबावाचें जाल्लें, तातूंत मराठीच्या समर्थकां लागीं एकाद्रो कोंकणी मनीस उलयलो वा इश्टागतीन वागलो, तांच्या वांगडा भोंवलो, जेवलो जाल्यार तांगेले कोंकणी निश्ठेचो हेर कोंकणी भक्त दुबाव घेताले. मराठीवाद्यां मदीं तशेंच वातावरण आसलें. देखून वळख देख आसुनूय मराठी आनी कोंकणी समर्थकां मदीं अदृश्य वणटी निर्माण जाल्यो, अशें वास्तवीक चित्र चंद्रकांत केणी सांगतात.[39]

गोंयचो हिंदू समाज जो गोंय स्वतंत्र जातकच आपणांक बहुजन समाज म्हणपाक लागलो. आनी ह्या बहुजन समाजाची भास मराठी, संस्कृती मराठी, शिक्षण मराठी म्हणून

गोंय महाराष्ट्राचो अविभाज्य घटक अशें मानपाक लागले. देखून, *‘जिथे मुंबई तिथे गोवा’* अशें ते मानपाक लागले. भौसान कोंकणीचो पाखो घेतले बगर कोंकणीचो उद्धार जावचो ना हाची जेन्ना कोंकणीवाद्यांक जाणविकाय जाली तेन्ना भौसा कडेन पावून तांकां समजावपाचो येत्न करप गरजेचें थारलें.

त्या वेळार मराठीवाद्यांनी गोंयच्या लोकांचेर कशी भूल घाली हे विशीं सदांनद सीताराम काणेकार आपल्या ‘ओपिनीयन पोल’ ह्या पुस्तकांत एके कडेन नोंद करून बरयतात, “गोंय महाराष्ट्रांत विलिनीकरण जालेंना जाल्यार तुमच्या घरा मुखा वयलें तुळशी वृंदावन ना जातलें आनी ताचे सुवातेर खुरीस उबे जातले. अशा अर्थाची भाशणां पोला वगतार माचये वयल्यान जावंक लागलीं. भावार्थी भोवजन समाज कांचवेलो”.[40]

तेन्ना कोंकणीवाद्यांनी आपली भुमिका तर्कशुद्ध रितीन मांडपाची थारायली. पूण कोंकणीवाद्यांचे माध्यम कोंकणी आसलें जें तांच्या पुरतेंच मर्यादीत आसलें हाची जाणीव तेन्ना तांकां जाली. जो मेरेन कोंकणीवाद्यांचें म्हण्णें महाराष्ट्रा मेरेन पावनासलें तो मेरेन कोंकणीची अवस्था सारकी आसची ना म्हणपाची जाणीव कोंकणी मनशाक जाली. तेन्ना एक स्वतंत्र दिसाळें चलोवप ह्या निर्णयाचेर कोंकणीवादी पावले. हे संबंदान अण्णा फणसे म्हणटात, “आपल्या ल्हानशा गोंयांक, आपले ल्हानशे भाशेक आनी जिवा परस आपूण जपून सांबाळिल्ली गोंयची म्हूण जी संस्कृती समूळ उध्वस्त करतल्यांचे प्रयत्न घरच्या भेद्यांनी सुरू केले तेन्ना ह्या गोंयच्या सुबुद्ध लोकांच्या ध्यानांत येवपाक वेळ लागलोना आनी तेन्नाच ‘राष्ट्रमत’ दैनिकाचे कल्पनेचो जल्म जालो आसूंक जाय”.[41]

“‘राष्ट्रमत’ सुरू जाल्लें विलिनीकरणाचो विरोध करपा खातीर. आनी कोंकणीक मराठीची बोली मानतल्या अर्दकुट्या गोंयकारांक ‘आमची भास कोंकणीच’ हें सांगपा खातीर. ते ‘आमकां कोंकणी समजना’ अशें म्हणटाले. समजना? बरें आसा, तुमकां आमची भास कोंकणी म्हूण मराठींत समजावन सांगतात अशें म्हणून ‘राष्ट्रमत’ मराठींत सुरू केल्लें. म्हळ्यार, मराठीवाद्यांक ‘बडोवपा’ खातीर आमी मराठीचो तोणको हातांत घेतिल्लो”, अशें रवीन्द्र केळेकार सांगतात.[42]

गोंय हो वेगळो संघप्रदेश राखपा खातीर, गोंयची अस्मिताय जपून दवरपा खातीर, गोंयच्या लोकांक जागृत करपा खातीर कोंकणीवाद्यांक एक गरज जाणवली. तेन्ना मराठीवाद्यांचो प्रचार करपा खातीर गोंयांत ‘गोमंतक’ ह्या दिसाळ्याचो जल्म जाल्लो. ह्या काळांत महाराष्ट्रांतलीं मराठी वर्तमानपत्रां मराठीची बाजू मांडपाचें कार्य नेटान करपाक लागलीं. ह्या वेळार मराठींतल्यान बरोवन मराठीवाद हुमटून काडपाची गरज कोंकणीच्या म्हालगाड्यांक जाणवली. हे गरजेक लागून ‘राष्ट्रमत’ ह्या दिसाळ्याचो जल्म जालो.

हें दिसाळें सुरू करपाक चंद्रकांत केणीचो व्हड हातभर आसलो. तांणी गोंयच्या सात उद्येगपतींचे आर्थीक मदतीचेर हें दिसाळें सुरू केलें. 1 सप्टेंबर 1963 ह्या वर्सा ‘राष्ट्रमता’ची बुन्याद घाली. सुरवेक ‘अव्हीद’ ह्या पुर्तुगेझ दिसाळ्याच्या छापखान्यांत तें छापून उजवाडाक येतालें. तें सुरू करपाक चंद्रकांत केणींनी गोंया भायल्या वर्तमानपत्रांतल्या लोकांक गोंयांत हाडले. तातूंत श्री. अण्णा फणसे आनी कृष्णा करवार ह्या मराठी मनशांचो राष्ट्रमत सुरू करपाक व्हड हातभार लागलो. देखून राष्ट्रमत सुरू करपाचें पयलें वयलें श्रेय चंद्रकांत केणी, श्री. अण्णा फणसे हांकांच वता. अण्णा फणसे हे महाराष्ट्रांतलें महाराष्ट्रवादाचे प्रा. के. अत्रे. हांचे तालमीत वाडिल्ले एक झुजारी पत्रकार आसले. पत्रकारितेचें तंत्र आनी मंत्र ते पुराय जाण आसले. ताच्या आदाराचेर राष्ट्रमताची बुन्याद घाली. राष्ट्रमताचे पयले संपादक श्री. वसंत वैकुंठ कारे आसले. पूण जेन्ना मराठीवादी राष्ट्रमताक ‘भ्रष्टमत’ म्हणपाक लागले तेन्ना तांणी संपादकपदाचो राजिनामो दिलो. तेन्नाच्यान संपादकाचे पदवेर चंद्रकांत केणी बसले. ह्या राष्ट्रमत दिसाळ्याची मोख आसली गोंयचे अस्मितायेची राखण करप आनी कोंकणीक तिच्या हक्काची सुवात दिवप. सुशांत कुंकळयेंकार अशें म्हणटा, “राष्ट्रमत म्हळयार ‘स्वाभिमानी गोंयचें जैतवंत राष्ट्रीय मुखपत्र’ खरेपणानशी गोंयच्या उत्फर्क्यां कडेन जोडिल्लें हें खबरांपत्र जनमत कौलाच्या जैतांत राष्ट्रमताचो म्हत्वाचो वांटो आसा.”[43]

तेन्ना गरज आसली एका परिपूर्ण दिसाळ्याची. देखून ह्या मराठी दिसाळ्याचो जल्म चंद्रकांत केणींच्या नेतृत्वा खाला जालो. राष्ट्रमतान ओपिनीयन पोला वेळार केल्ल्या ह्या कार्या विशीं चंद्रकांत केणी सांगतात, “.....राष्ट्रमत दिसाळें आमी सुरू केलें. दिसाळ्याक

प्रतिसाद बरो मेळ्ळो, पूण वेंचणुकेचो निकाल तें बदलूंक पावलें ना. जालेंय जाल्यार 'राष्ट्रमत' दिसाळ्यान फुडें मराठींतल्यान कोंकणीची वकिली समर्थपणान केली आनी 1967 वर्साच्या ओपिनियन पोलाचो निकाल संघप्रदेशाचे मागणेक तेंको दिवन गेलो. हाजें श्रेय 'राष्ट्रमता'क मेळूंक फावो. ते उपरांत राष्ट्रमताचो वावर हो कोंकणीक पोशक आनी पुरक असोच आसलो. कोंकणीच्या जैताच्या एकेका पांवड्यार राष्ट्रमताचो सांगांत आसलो. ही गजाल कोणूच न्हयकारचो ना. खरें म्हळ्यार 'राष्ट्रमत' हें कोंकणी चळवळीचें वेगळावंक नज अशें आंग जावन बशिल्लें. निश्ठावंत कोंकणी भक्तांचें एक पथक 'राष्ट्रमतां'त काम करतालें आनी ताच्या धोरणाक दिशा दितालें."[44]

ओपिनियन पोल येवन तो जिखसर राष्ट्रमतान एक सारकें कार्य केलां, तेन्ना चंद्रकांत केणी ताचे संपादक आसले. मराठीवादी राष्ट्रमताक 'भ्रष्टमत' अशें म्हणपाक लागले. पूण ओपिनियन पोलाचो निकाल लागलो त्या वेळार काँग्रेसवाल्यांच्या आनी यु. गो. वाल्यांच्या मतां भायर विलिनीकरणा आड जी मतां पडलीं तातूंत चडांत चड मतां राष्ट्रमत वाचिल्ल्यांनीच दिल्लीं आसूंक जाय. ओपिनियन पोल कोणेय हाडूं तो जिखपाच्या कार्यांत राष्ट्रमताचें आनी चंद्रकांत केणींचें व्हड योगदान आसा. ओपिनियन पोला वेळार चंद्रकांत केणींचें काम सकाळीं राष्ट्रमताचे कचेरे सावन सुरू जातालें आनी सांजेचे राती मेरेन प्रचार चालूच आसताले. ह्या संबंदान Rodriguese Maria Do ceu म्हणटात "'Rashtramat' was the energy number one of Goans mergers into Maharashtra."[45]

16 जानेवरी 1967 ह्या दिसा जाल्ल्या ह्या ओपिनियन पोला वेळार चंद्रकांत केणींच्या कांया विशीं सदानंद सीताराम काणेकार वर्णन करतात, "भौ. केणी हांचें बरप सदांच अभ्यासपूर्ण, मुद्देसूद तथा विस्तारान आसतालें. तो जितलें बरें बरयतालो, तितलेंच बरें उलयतालो. फांतोड तें दनपार मेरेन राष्ट्रमतान काम करप आनी मागीर दनपार ते मध्यान रात मेरेन प्रचारा खातीर गोंयभर भोंवप हो पोला वेळार ताचो नित्याचो क्रम आसलो. ताणें व्हड-व्हड सभा गाजयल्यात आनी तितलेच गंभीरतायेन आनी उमेदीन ल्हान सान कॉर्नर मिटिंगांनी उलोवपां केल्यांत. आपणाले विचार पद्धतशीरपणान पटपा सारक्या भाशेंत थंडसाणीन मांडून तो लोकांचीं मनां जिखतालो."[46]

"'राष्ट्रमत' दिसाळ्यान इतिहास घडयलो. एकहाती म्हणटात तसो 'राष्ट्रमत' दिसाळ्यान विलिनीकरणा आड लढो दिलो आनी गोंय राखपाचों मोलादीक वावर केलो. कितल्योय अडचणी येवं, राष्ट्रमत हाल्लें ना, बाडगलें ना. हाजें पुराय श्रेय संपादक ह्या नात्यान चंद्रकांतबाबांक फावो जाता" अशें नागेश करमली म्हणटात.[47]

ओपिनियन पोला वेळार चंद्रकांत केणी आनी राष्ट्रमत हांच्या वावरा विशीं उलयता आसतना भिकू बोमी नायक म्हणटात, "पत्रकारितेच्या मळार केल्लो वावर तर देखदिणोच! 'राष्ट्रमत' दिसाळें सुरू करून गोंयाच्या अस्तित्वाची लढाय सुरू केली आनी जिखलीय बी. ओपिनियन पोलाचे खरे सुत्रधार 'राष्ट्रमतकार' आसले म्हटल्यार अतिताय जावंची ना. राष्ट्रमतांतल्यान चंद्रकांतबाब आनी तांच्या समकालीन फुडाऱ्यांनी प्रखर लिखाण करून गोंयाच्या निद्रिस्त लोकांक जागृत केले. देखून आमी ओपिनियन पोल जिखले. गोंयचें गोंयकारपण तिगयलें".[48]

कोंकणी भाशेंचे कट्टर विरोधक लेगीत कोंकणी मनशाचो विरोध करिनासले. असल्यो कांय देखी ओपिनियन पोला वेळार दिसतात. ओपिनियन पोला वेळार एकदा शाहीर अमर शेख गोंयात आयिल्ले. रिवणा मराठीवाल्यांची सभा आसली. हे सभेंत आपले उलोवप करता आसतना अमर शेख शाहीर हांणी आपलो पोवाडो म्हळो, तेन्ना एका कोंकणीवादी फुडऱ्याचें नांव घेवन *'खरूज होवू रे त्याला*, हगवण *लागू रे त्याला.'* अशें म्हणटकच ना. भा. नायक मदींच उठून उबे जाले आनी अमर शेख शाहीर हाजें गायन बंद करूंक लायलें आनी तांकां शिटकावन सांगलें की तूं हांगा मराठीची बाजू मांडून विलिनीकरणा वतीन उलोवंक आयला, आमच्या भुरग्यांक गाळी घालून तांचें वायट चिंतपाक न्हय.[49]

चंद्रकांत केणी असो एक ताचों अणभव सांगतात की म. गों. वा मराठी वतीन आशिल्ल्या कितल्याशाच जाणांक कोंकणीवाद्यां विशीं सहानभुती आसली तातूंत दयानंद बांदोडकार एकदां मंगेशी सावन पानाचो प्रचार करूंक येताना फुलवाल्यांनी पानवाल्यांची गाडी वाटेर झांडा कातरून घालून आडायल्या आनी गाडयेचे टायर पंक्चर करून दवरले. मोटो बिकट प्रसंग उप्राशिल्लो अशें चंद्रकांत केणी म्हणटात. पूण तेन्ना फाटल्यान

बांदोडकराची गाडी येताली. बांदोडकारान गाडी थारावन भायर सरून तांणी मारून उडयल्लीं झाडां कुशीक काडूंक लायलीं आनी पंक्चर केल्ले टायर बदलून फोंड्यां पावसर बांदोडकराची गाडी पानावाल्यांचे राखणेक आसली.[50]

विलिनिकरणा वेळार वेगळ्या वेगळ्या घडणुकां मदीं एक म्हळ्यार एडवॉकेट सुशील कवळेकार हाका चंद्रकांत केणींनी दिल्लें जाहीर आव्हान. एडवॉकेट सुशील कवळेकार हो कट्टर मराठीवादी आसलो आनी गोंय हें महाराष्ट्रांत विलीन जावपाक जायच ह्या मताचो आसलो. ताका चंद्रकांत केणींनी जाहीर आव्हान दिलें की विलिनीकरणाच्या मुद्याचेर आपणा वांगडा वादविवाद करपाक यो.[51]

विलिनीकरण विराधी कोंकणीवादी कांय घोशणा करीत प्रचार करताले. तांतूत

“विलीनीकरण म्हणचे मरण”

“गोंय कोणाचें?”

“गोंयकाराचें”

“आमचें गोंय”

“आमकां जाय”

“कोंकणी भास आमची माय”

“आमचें गोंय आमकां जाय”

“नको आम्हां श्रीखंड पुरी.”

“आमची शीत कडी बरी.”

“सरकार हवे पणजीला.”

“आपले मत संघप्रदेशाला.”

असल्या घोशणांनी तेन्ना गोंय गाजलें. ओपिनियन पोल हें एक धर्मयुद्धा सारकें जालें. जिखतले काय मरतले हो विचार करिनासतना गोंयकारांनी ओपिनियन पोलाच्या होमखणांत घालून घेतलें.

सप्टेंबर 1966 वर्सा ओपिनियन पोल करपाचो निर्णय केंद्र सरकारान घेतलो. 16 जानेवरी 1967 ह्या दिसा करपाचो थाराव केंद्र सरकारान केलो. त्या वेळार एकंदर

परिस्थिती जिणे मरणा सारकी आसली. दोन पानांवाले ओपिनियन पोलांत जैत मेळना जाल्यार कितें जातलें असो प्रस्न कोंकणीवाद्यां मदीं उबो जालो. ह्या भंयान दो. मुळगांवकार, गोपाळ आपा कामत, बाकीबाब हांणी तो टाळपाचो येत्न केल्लो. तेन्ना श्री. स. का. पाटिल हो मराठी फुडारी आनी भारतीय राजकारण तशेंच समाजकारणांत गाजतालो. तसोच तो एक निश्टावान काँग्रेस वावुरपी आसलो आनी तेन्ना तो केंद्रीय रेल्वेमंत्री आसलो. तेन्ना श्री. स. का. पाटिलान चंद्रकांत केणींक विचारलें, "तुमकां दुबाव आसा जाल्यार सार्वमत कौल रद्द करुया?" "पूण वेळ टळून गेल्लो, जावपाचें आसा तें जातलें" असो विचार चंद्रकांत केणींनी ताका दिलो.[52]

ओपिनियन पोल जिखतले काय ना ह्या संबंदान एक व्हड दुबाव आसलो. 95% जिखतलें अशें दिसतालें तर 5% हारीची भिरांत आसली. हे खातीर चंद्रकांत केणी स्वता दयानंद बांदोडकाराच्या सतत संपर्कांत आसताले. गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जालें जाल्यार विदर्भा भशेन वेगळो हक्क मेळपाक जाय हे खातीर एक मसुदोय चंद्रकांत केणींनी तयार केल्लो. ह्या मसुद्याचो मजकूर दयानंद बांदोडकाराक सांगूंक चंद्रकांत केणी स्वता गेल्ले. ह्या वेळार मराठीवाद्यां मदीं एक राजकारण शिजलें. चंद्रकांत केणी जें सांगतात तो मजकूर रॅकॉर्ड करून घेवन मागीर म्हापशेंचे जाहीर सभेंत ती टेप वाजोवन दाखोवप असो कट एम. एस. प्रभून केलो. एका पड्ड्या फाटल्यान मायक लावन चंद्रकांत केणी आनी दयानंद बांदोडकाराचो संवाद एम. एस. प्रभू रॅकॉर्ड करतालो. मदींच पड्डो सुटलो. चंद्रकांत केणींक दुबाव आयलो तेन्ना तांणी आपलो पवित्रोच बदल्लो. आनी एम. एस. प्रभूचो कट येसस्वी जावंक पावलोना.[53]

"राष्ट्रमत दिसाळें गोंयच्या इतिहासाच्या एका तेजिश्ट पर्वाची गवाय. गोंय गोंय दवरुपाच्या वावरांत राष्ट्रमताचो म्हत्वाचो हातभार लागला," अशें माधवी सरदेसाय म्हणटात.[54]

अशा ह्या वातावरणांत 16 जानेवरी 1967 वर्सा ओपिनियन पोल जालो आनी ताचो निकाल स्वतंत्र गोंयवाद्यां वटेन लागलो.

26 फेब्रुवारी 1975 वर्सा कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी. 30 मे 1987 वर्सा गोंय भारत देशाचें घटक राज्य जालें. तर 4 फेब्रुवारी 1975 वर्सा कोंकणी राज भास जाली. 20 ऑगस्ट 1992 वर्सा कोंकणी भाशेचो आसपाव भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत जालो.

ओपिनियन पोला वेळार डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार हांणी चंद्रकांत केणींच्या सहाकार्यान राष्ट्रमत ह्या दिसाळ्यांत कार्य केलें. तांणी चंद्रकांत केणींचें कार्य चड लागसून पळयिल्लें आनी त्या कार्या विशीं सांगता आसतना ते म्हणटात, "ओपिनियन पोलां'त महाराष्ट्रांत विलिनीकरण ह्या तत्वाचो पराभव जालो आनी गोंयचें स्वतंत्र व्यक्तिमत्व तिगून उरलें, हाजे फाटल्यान, हेर कितल्याशाच गोंयकारां बराबर चंद्रकांत केणी, ह्या भोवआयामी व्यक्तिमत्वाचो वावर म्हत्वाचो आसा. तांणी कोंकणी चळवळ, राष्ट्रमत हांच्या पांवड्या वेल्यान आनी वैयक्तीक पांवड्या वेल्यान ओपिनियन पोलाच्या प्रचारांत संघराज्याचे वटेन लोकां मदीं जागृताय हाडली आनी विलिनीकरण वाद्यांच्या मुद्यांक समर्थपणान जाप दिली.[55]

"पूण खऱ्यांनीच गोंयकारांक विलिनीकरण जाय आसलें? तांकां मराठी जाय आसली? अडेच्या अभिमानी लोकांनी महाराष्ट्रवादी आनी मराठीवादाचें सवंग घेतिल्लें तें तांकां लागलें खरें, पूण सामान्य भौसाक पुर्तुगेझ राजवटीच्या धोरणाच्या अणभवाक लागून महाराष्ट्रांत गेल्यार गोंयचे हिंदू सुरक्षीत उरतले अशें दिसतालें आनी ताचो फायदो राजकारणी घेताले. ओपिनीयन पोलाक धर्मनिरपेक्षतेक जैत मेळ्ळें. हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान एकठांय आयले देखून ओपिनियन पोलाचो निकाल विलिनीकरणा आड गेलो". अशें चंद्रकांत केणी ओपिनियन पोलाच्या जैता विशीं सांगतात.[56]

गोंयच्या राजकी मळार वावूरपी आनी गोंयचे आतांचे मुख्यमंत्री दिगंबर कामत गोंयाचे त्या काळांतले परिस्थितीचो पुराय नियाळ करून चंद्रकांत केणींच्या कार्या विशीं म्हणटात, "हिंदू भौजन समाज तेन्ना पुरायपणान बांदोडकारांच्या फाटल्यान आशिल्लो आनी भाऊ सांगता तशेंच करतालो. अशें आसूनय बी विलिनीकरणवादाची जी हार जाली, तिका कारण 'राष्ट्रमताचें' कार्य आनी केणीबाबाले यत्न जावन आसात. 'आम्हा *नको श्रीखंडपुरी, आमुची शीत कडीच बरी'* हें महाराष्ट्रवाद्यांक तांचे भाशेन सांगपाची आयड्या तांच्या

तकलेंन आशिल्ली. तांकां 'हॅट्स ऑफ' करुंकच जाय. आनी ह्या लोकांचें मुखेलपण आशिल्लें तें राष्ट्रमता कडेन, केणीबाबां कडेन. तुमकां भाऊच मुखेलमंत्री उरिल्लो जाय काय नाका? जाय जाल्यार गोंय स्वतंत्र रावचें पडटलें. तें महाराष्ट्रांत विलीन जालें जाल्यार त्या येद्या व्हडल्या राज्यांत भाऊची दाळ शिजपाक ना. चडान चड जाल्यार तो एक मंत्री उरत, हें लोकांक बेस बरें पटोवन दिवपाचें काम केणीबाबान केलें.... एका उतरान जर ताचें वर्णन कर अशें म्हाका कोणूय सांगीत जाल्यार हांव तांकां 'अ व्हिजनरी' म्हणन."[57]

ओपिनियन पोलाचो काळ 'भांगरा काळ' म्हणटा आसतना सदानंद सि. काणेकार म्हणटात. "1967 वर्सा ओपिनियन पोल जाल्लो. हो ओपिनियन पोल फकत गोंयांतूच न्हय तर आख्ख्या भारतांतलो आयज मेरेनचो एकमेव राजकी प्रयोग. आनी हो ओपिनियन पोलाचो काळ म्हळ्यार कोंकणी चळवळीचे नरदेन भोव म्हत्वाचो काळ. ताकाच कोंकणीचो 'भांगरा काळ' म्हळ्यार अतिताय जावची ना."[58]

1967 वर्सा जो ओपिनियन पोल स्ट्रॅटजीचो लाब जालो त्या जनमत कौलाचो धनी कोण हाचेर वाद-भासाभास 21व्या शतकाचे सुरवेक जालो. खूब जाणांनी तें श्रेय आपल्याक घेतलें, तर कांय जाणांनी दो. जॅक सिकेरीक दिलें. तशें पळोवपाक गेलो जाल्यार ओपिनियन पोलाच्या जैतांत व्हड वांटेकार राष्ट्रमत आनी चंद्रकांत केणी आसले. पूण हो दावो चंद्रकांत केणींक करपाक येतालो अशें रवीन्द्र केळकार म्हणटात. ते ह्या संबंदान अशें मत दितात, "चंद्रकांतबाबाच्यान आपणालो हक्क सांगूं येतालो. कित्याक तो राष्ट्रमताचो संपादक आशिल्लो आनी राष्ट्रमताच्या पयल्या पानावयल्या पयल्या अक्षरा पसून निमाण्या पाना वयल्या निमण्या अक्षरा मेरेन जें कितें बरप करतालो तें विलिनीकरणवादाच्यो तिसत्यो वादऱ्यो करपी बरप आसतालें."[59]

पूण ओपिनियन पोलाचो खरो बापूय कोण ह्या संबंदान चंद्रकांत केणी अशें मत दितात. "*.... ...who then is the father of the opinion poll? Victory has many fathers but defeat is an orphan. Those who are unbiased know that such an historical event is the outcome of the intense feelings of the multitude. The outcome of an event like the opinion poll is the victory of values, which generations have preserved. Individuals will come and go but Goa has to remain forever*"[60] हांगा

चंद्रकांत केणी म्हणटात, “ओपिनियन पोल हो हाडपाक गोंयच्या सगळ्या गोंयकारांचो हातभार लागला, तो एकल्यान हाडला म्हणपाक जावचें ना. कारण सगळ्यांनी तितलेंच कश्ट घेतलां”.

चंद्रकांत केणी कोंकणी भास आनी कोंकणी प्रदेश हांच्या खातीर पुराय जीण वावूरले. ह्या तांच्या पुराय कार्याचो नियाळ मतींत दवरून साहित्यीक पुंडलीक नायक अशें मत उकतें करतात की, “एक संघटक, कोंकणी भाशा चळवळीचो फुडारी म्हणून चंद्रकांतबाबाच्या वावराची हेर कोणा कडेन तुळा जावपाक शकना. गोंयच्या स्वतंत्र्या उपरांत 1967चो ओपिनियन पोल आनी 1975ची कोंकणी साहित्य अकादेमी मान्यताय ह्यो दोन गजाली म्हत्वपूर्ण आसात. ह्यो दोनूय गजाली आमी जिखपाक पावूंक नाशिल्ले जाल्यार हे धरतरे वयलें कोंकणीचें अस्तित्व आयज दिसपाचेंच नासलें. ओपिनियन पोला वेळा वयली राष्ट्रमताची निर्मिती आनी राष्ट्रमताचें योगदान आयच्या जैताचें कारण आसा. चंद्रकांतबाब तातूंत म्हत्वाचे घटक आसात.”[61]

## चंद्रकांत केणी आनी कोंकणी संघात्मक वावराची चळवळ.

कोंकणी भाशीक चळवळ गोंया भायर वाडोवपाचो वावर चंद्रकांत केणींनी केला. ह्या वावरांत गोंया भायरच्या कोंकणी मनशाक एकठांय करपाचो कठीण वावर आसलो. 1939 वर्सा श्री. माधव मंजुनाथ शानभाग ह्या कोंकणी मनशान कारवारांत अखील भारतीय कोंकणी परिशदेचें पयलें अधिवेशन घडोवन हाडून देशांत सगळे कडेन शिंपडून आशिल्ल्या कोंकणी मनशाक आनी समाजाक एकठांय हाडलो. शणै गोंयबाबान लेगीत आपणाल्या खूब अभ्यासपुरक साहित्यीक वावरांतल्यान कोंकणी मनशाक एकठांय करपाचो प्रयत्न केला. तातूंत रवीन्द्र केळेकारांक लेगीत एकठांय हाडपाचो आपलो असो खाशेलो वावर केला. पूण कोंकणी समाजाक आनी मनीस हांकां एकठांय हाडपाचो जो वावर आसा तो कांय प्रमाणांत नदरेंत भरता तो चंद्रकांत केणींचोच, कारण तांणी तो प्रत्यक्षांत भोंवतना एकठांय केला आनी तातूंत ते येसस्वी जाल्यात.

गोंयां भायलो प्रदेश, चड करून लागींचो प्रदेश कर्नाटक राज्यांत सगळ्यांत पयलीं कांय कारणांक लागून कोंकणी मनीस स्थायीक जाल्ले त्या मनशांक एकठांय हाडपाचो

वावर केला. 1975 उपरांत ह्या वावराक हात घालो. पयले फावटीं तांणी कर्नाटकांतल्या हिंदू आनी किरिस्तांव लेखकां वांगडा थंयच्या कोंकणी फुडाऱ्यांक एकठांय हाडले देखून गोंया भायले कोंकणी बरोवपी म्हळ्यार चा. फ्रा. दिकॉश्ता, बी. व्ही. बाकिगा, मार्क व्हाल्डार सारक्या मनशांची वळख गोंयच्या कोंकणी मनशा कडेन केली.

चंद्रकांत केणींच्या संघात्मक वावरा विशीं उलयता आसतना महाबळेश्वर सैल म्हणटात, "तांचो आनीक एक म्हत्वाचो वावर म्हणल्यार गोंय धरून कोचीन मेरेन फापसल्ल्या कोंकणी मनशांक एकठांय हाडचेलो मोटो वावर तांणी केला. ह्या पुराय वाठारांत तांणी आदीं कोंकणीचें चैतन्य जागयलें. तांच्यो संस्था बांधून हाडल्यो. संमेलनां, परिशदां वरवीं तांकां एकठांय हाडले. तांचे भावसंबंद घट केले. ह्या फापसल्ल्या मनशां मदलो ते एक सांकव जावन आसले. तांकां कोचीन धरून गोंय मेरेन सगळे मानताले."[62]

ह्या काळांत चंद्रकांत केणी कोंकणी चळवळीच्या पंगडांत आसले पूण केन्ना कोंकणी चळवळीचे फुडारी जावंक नासले. 1975च्या आदमासाक तांणी हें फुडारपण घेतलें. ह्या काळांत तांणी कोंकणी चळवळीची जापसालदारकी आपल्या आंगार घेतली. तेन्ना तांचो पर्तगाळच्या मठा कडेन संबंद जोडून आयलो. आनी करतां करतां एक दीस विद्याधिराज स्वामीचे सल्लागार जाले. तेन्ना विद्याधिराज स्वामी गोंयांत आनी गोंया भायर प्रवचनां करताले. स्वामी गोंयांत आनी कारवारा येतकच लोकांक मराठींत प्रवचनां दिताले. जेन्ना ही परिस्थिती बारीक निरिक्षण केले उपरांत स्वामीचो सल्लागार ह्या नात्यान तांणी स्वामीक सगळे कडेन कोंकणींत प्रवचनां करात म्हूण सल्लो दिलो. आनी देखून स्वामी सगळे कडेन कोंकणींत उलोवपाक लागले. हे तरेन कोंकणी सारस्वत समाज एकठांय आयलो.

एक दीस चंद्रकांत केणींनी के. के. पै सारक्या उद्देजकाक कोंकणीच्या माटवांत हाडलो. के. के. पै हो सिंडिकेट बेंकेचो मॅनेजर आसलो. ताका चंद्रकांत केणींनी कोंकणीचे चळवळींत ओडून ताका कोंकणी परिशदेचो अध्यक्ष केलो.

ह्या चंद्रकांत केणींच्या कार्याचो नियाळ घेवन रवीन्द्र केळकारांनी एकदां तांकां मेळून सांगलें, "चंद्रकांत तुजीं पावलां चुकीचे दिकेन पडपाक लागल्यांत आं ! कोंकणीच्या नांवान

तूं सारस्वत समाजाचें संघटन करूंक लागला. आमचेर पयलींच ‘सारस्वत’ म्हणून छाप बसला. कोंकणीचेर सारस्वताची भास म्हणून छाप आसा. तुज्या ‘राष्ट्रमताक’ कांय जाण ‘सारस्वत मत’ म्हणपाक लागल्यात आनी तूं सारस्वत समाज उबो करपाक लागला! हालींसराक पुंडलीक, शिवदास, तानाजी, वेळुस्कार, पाडगांवकार हाजे सारकेले भौसांतले कोंकणी भक्त निर्माण जाल्यात. ते आमचे पसून पयस वतले आं.” हाचेर चंद्रकांत केणींनी रवीन्द्र केळकारांक थंडसाणेन जाप दिली, “तांकां हुनहुनीत येवकार दिवया पूण सारस्वतांचेर बहिश्कार करप ना. सारस्वत कोंकणी समाजाचो मेंदू ‘ब्रेन’. तो ज्यो देखी दिता त्योच देखी हेर दिवपाक लागतात. तो कोंकणी पसून कडेक सरलो जाल्यार तो ‘ब्रेनड्रेन’ जातलो. आनी तो आमकां परवडपाचो ना.”[63]

चंद्रकांत केणी ह्या प्रस्नाचेर खूब बरकायने विचार येवजण करताले हें उपरांत सगळ्या लोकांक दिसून आयलें. तातूंत के. के. पै हाणें दोन वर्सां भितर ‘विश्व कोंकणी संमेलन’ घडोवन हाडलें. ह्या तांच्या कार्याचो नियाळ करून रवीन्द्र केळेकार अशें मत दिता, “दक्षीण कॅनरांतल्या सगल्या कोंकणी लोकांक जोडून घेतले. आतां मेरेन गोंयचे हिंदू, क्रिस्तांव, कारवारचे हिंदू-क्रिस्तांव आनी दक्षीण कॅनरांतले कानडी लिपींत बरयताले. ते इतल्यांकच कोंकणी समाज म्हणटाले. चंद्रकांताक लागून दक्षीण कॅनरांतले कोंकणी संबंदान उदासीन आशिल्ले लोकूय कोंकणी चळवळीक मेळ्ळे. आमी धा पंदरा लाख आशिल्ले ते एकदम चाळीस पन्नास लाख जाले.” रवीन्द्र केळकार म्हणटा, “एक दोन वर्सां भितर म्हज्या लक्षांत आयलें चंद्रकांत समाज घडोवपाच्या कामाक लागला. जे मेरेन कोंकणी ‘लोक’ आशिल्लो कोंकणी ‘समाज’ निर्माण जावंक पावंक नाशिल्लो. हो समाज चंद्रकांतान निर्माण केला.”[64]

चंद्रकांत केणींच्या कोंकणी संघटनात्मक वावराची चळवळ वेगळ्या रुपांत आनी गतीन कशी मेळयली हाचो विचार केलो जाल्यार ताचें कार्य स्पश्ट दिसता. गोंय मुक्ती उपरांत गोंयांत कांय वाद सुरू जाले तातूंत ओपिनियन पोल हाडपाची इतिहासीक घडणूक जाली. ओपिनियन पोला वेळार भारतांत वट्ट कोंकणी लोक कितले हाचेर विचार जावपाक लागलो. भारतांत कोंकणी लोकांचो आंकडो कितलो हें कोणाकूच सारकें खबर नासलें तेन्ना

शिरगणतेचे आंकडे सारके नात म्हणपा विशीं दोन मतां नासलीं. खाजगी संस्थांनी सर्वेक्षणाच्या आदारान जगांत चाळीस लाख कोंकणी भास उलयतात असो एक निश्कर्श तेन्ना थारलो तेन्ना चंद्रकांत केणींक गोंयांत फकत सात लाख कोंकणी उलोवपी समाज दिश्टी पडलो. पूण हो उरिल्लो 33 लाख कोंकणी समाज खंय आसा? जेन्ना ह्या प्रस्नाची ते जाप सोदपाक लागले, तेन्ना तांकां कळ्ळें, कर्नाटकांत 16-20 लाख कोंकणी उलोवपी लोक आसात. त्या वेळा वयले परिस्थितीचेर नदर दवरून विचार केलो जाल्यार त्या वेळार ही जाणवीक जाली, जर कोंकणी चळवळ कर्नाटकांत पावली जाल्यार महाराष्ट्रवादाच्या विळख्यांतल्यान कोंकणीची सुटका सहज जावं येताली. ते दिकेन यत्न करपाक जाय हाची तेन्ना जाणवीक चंद्रकांत केणींक जाली. पूण कर्नाटकांत कोणा कडेन संपर्क सादपाचो हो प्रस्न तितल्याच गंभीरपणान उबो जालो.

चंद्रकांत केणी जेन्ना मुंबय आकाशवाणी केंद्राचेर कोंकणी विभागांत वावर करताले. तेन्ना तांची वळख मंगळुरी कवी कडेन जाली, तो म्हळ्यार चार्ल्स फ्रांन्सिस द कोश्ता म्हळ्यार सी. एफ्. द. कोश्ता. मुंबयंत रेडियो खातीर तो कथा, कविता आनी नाटकुलींय बरोवन धाडटालो. तशेंच ‘पयरणी’ ह्या नांवाची एक ‘पत्रिकाय’ तो चलयतालो. आनी मुंबय ‘बेस्ट कॅपनीत’ तो चाकरी करतालो. ताचे कडेन चंद्रकांत केणींची इश्टागत मुंबय शारांत जुळून आयली. पूण उपरांत जेन्ना चंद्रकांत केणी दिल्लीक आचार्य काकासाहेब कालेलकांर कडेन गेलो आनी एफ. द .कोश्ता मंगळूराक परतलो दोगांय मदीं पत्रवेव्हार चालू आसलो.

ओपिनियन पोला आदीं कर्नाटकांत कोंकणी चळवळ जाली पूण ती चळवळ गोंयच्या संपर्कांत येवंक नासली. मंगळूर शार कोंकणी साहित्यीक प्रवृतीचें मुखेल केंद्र आसलें. थंय सावन साबार पत्रां उजवाडाक येतालीं तातूंत कोंकणी कविता, कथा, कांदबरी, नाटक हांकां पोशक अशें वातावरण आसलें. देखून हे प्रवृत्तीचें कार्यक्षेत्र मंगळूर वा दक्षीण कन्नड वाठारा पुरतेंच मर्यादीत उरतालें.

कोंकणी मनशाक एकठांय हाडपा खातीर चंद्रकांत केणी मंगळुराक गेले. थंय वतकूच तांणी जो कोंकणी समाज पळेलो ताचें वर्णन ते अशे रितीन करतात. ते सांगतात, “मंगळुराक वतकच म्हाका कळ्ळें की जाका आमी सी. एफ. द. कोश्ता म्हणून वळखताले

ताका थंय लोक चा. फ्रा. ह्या नांवान वळखतात आनी मानतात. दोन दीस मेरेन चा. फ्रा. कडेन उलोवणीं केली तेन्ना म्हाका समजलें, कोंकणी साहित्यीक चळवळींत किरिस्तांव जितलो वांटो घेतात. हिंदूंचो कोंकणीक विरोध नासलो तरी ते कुशीक रावतात. आनी खंतीची गजाल ही की ख्रिस्ती आनी हिंदू समाजा मदीं संपर्क ना. 'पंचकाद्य' नांवाची एक पत्रिका बी. व्ही. बाळिगा चलयतालो. ताचें स्वरूप काशी माठच्या अनुयायींचें मुखपत्र कशें आसलें. वावराक खंयच्यान सुरवात करची तें म्हाका समजलें ना. गोंयांतल्या हेर भक्तांनी व्हडलीशी उमेद दाखयली ना. गोंयांतच आमचें बळगें उणें पडटा जाल्यार कर्नाटकांतल्या वावराची जापसालदारकी उखलप पिशेपणाचें जातलें अशें तांकां दिसतालें. हांवें मनांत दोन संकल्प केले. किरिस्तांव समाजाचे मार्फतीन कोंकणी खातीर चळवळ सुरू करपाची आनी हिंदू समाजाक लागीं ओडपाचो यत्न करपाचो."

तेन्ना किरिस्तांव समाजाक एकठांय हाडपाक तांकां इगर्जेचो आदार घेवचो पडलो. कारण किरिस्तांव समाजाचेर इगर्जेचो प्रभाव खूब आसा. तेन्ना थंय बिशपाच्या आसऱ्या खाला 'राखणो' नांवाचें सप्तकी पत्र चलतालें. जाच्यो हजारांनी प्रती खपताल्यो, देखून बिशपा म्हऱ्यांत वचपाचो विचार चंद्रकांत केणींनी केलो आनी तो चा. फ्रा. मुखार मांडलो. तेन्ना त्या प्रस्तावाक चा. फ्रान पुराय न्हयकार दिलो. कारण इतलेंच की चा. फ्रा. हो साम्यवादी विचारसारणेचो मनीस आसलो आनी तो कामगार संघटना चलयतालो आनी इगर्जेच्या इस्पितळांत संप घडोवन हाडपाची तयारी त्या वेळार ताणें केल्ली. तशेंच ताच्या साहित्यांत तेंच स्वरूप पळोवंक मेळटालें. देखून चा. फ्रान न्हयकार दिलो.

ह्या कारणाक लागून चंद्रकांत केणींक बिशपाक मेळपाक एकल्याकूच वच्चें पडलें. बिशप चंद्रकांत केणीं कडेन कोंकणी भाशेंत उलयलो. बिशपाच्या तोंडातल्यान संस्कृत कोंकणी आयकून चंद्रकांत केणी प्रभावीत जाले. पूण बिशपान केणींक सुचवण्यो केल्यो त्यो विचार करपा सारक्यो आसल्यो. ताणें चंद्रकांत केणींक सांगलें की कोंकणीच्या वावराक बऱ्या मनशा कडेन वचपाक जाय, चा. फ्रा ह्या वावराक उपकारचो ना. व्हड खंती परिस्थिती निर्माण जाली. पूण चंद्रकांत केणी जाणा आसले की चा. फ्रा जे रितीन कोंकणी परिस्थिती विशीं विचार करतलो तसो आनी कोण करी नासलो. ताचे कडेन पयशे नासले पूण

संघटनशक्ती आसली. हो मुद्दो भासाभास करून विचार करपा खातीर चंद्रकांत केणींनी एक बसका घेतली. थंय तांणी कोंकणी भाशा मंडळ स्थापन करचें असो एक प्रस्ताव मांडलो आनी तो सगळ्यांक मान्य जालो. उपरांत थंय सावन ते मणिपालाक गेले. डॉ. टोनसे माधव अनंत पै हांकां मेळ्ळे. ते अखील भारतीय कोंकणी परिशदेच्या उडुपी संमेलनाचे येवकार अध्यक्ष आसले. तांणी चंद्रकांत केणींक पुराय सहकार्याचें उतर दिलें.

मंगळुराचें कोंकणी भाशा मंडळ सुरू जावंक सुमार स म्हयने लागले. ह्या काळांत चंद्रकांत केणींक सात-आठ फावटीं मंगळुराक वचून येवचें पडलें. थंय जीं झगडीं जातालीं तीं पालोवपाक तांणी यत्न केलो. पूण चा. फ्रा. विर्शींचें बिशपाचें मन बदल्लें ना. पूण उपरांत चंद्रकांत केणींच्या विचाराक लागून विरोध उणो जावपाक लागलो. अशे तरेन 1 जानेवरी 1975 वर्सा चंद्रकांत केणींच्या सहकार्यान मंगळूर कोंकणी भाशा मंडळाची स्थापना जाली आनी कोंकणी चळवळीक एक वेगळो नेट आयलो. उपरांत कर्नाटकांतलो हिंदू समाज चड आस्थेन आनी व्हड संख्येन कोंकणी चळवळींत सामील जावंक लागलो.

केरळांत ते आदीं संघटीत चळवळ चलताली. हें विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “अखील भारतीय कोंकणी परिशदेची प्रवृत्ती फुडें वाडली तशी देशांतले कोंकणी चळवळीक वेगळे आयाम मेळ्ळे आनी तिचे संदर्भ बदल्ले. केरळांत मल्याळम उलोवपी बरोवपी कोंकणी भाशीक आसले, जांचो मराठी कडेन कसलोच संबंद नासलो. कर्नाटकांतल्या कोंकणी लेखकांचो आनी वाचकांचो कन्नड भास आनी साहित्या कडेन संबंद आसलो तरी मराठीचो स्पर्श तांकां जावंक नासलो. आनी हे सगळे लोक कोंकणीच्या व्यासपिठाचेर एकठांय येवंक पाविल्ले. त्या वेळार हांवें एक विचार मांडलो. भुगोलीक आनी संस्कृतीक नदरेन आर्य भारता कडेन जोडपाचें काम कोंकणी भास आनी प्रदेश करता. कोंकणी हो भारतीय एकात्मतेचो एक पूल. हो पूल जितलो घट जायत तितली भारतीय एकता घट उरतली.”[65]

चंद्रकांत केणींचे संघटनाचो वावर खूब व्हड आनी व्यापक आसा. हें ताचें कार्य मतींत दवरून पुंडलीक नायक म्हणटात, “1985 मेरेन म्हणल्यार राजभास आंदोलना पयलीं कोंकणी चळवळी खातीर जीं जीं आधिवेशनां-परिशदो जाल्यात, शिश्टमंडळां दिल्लीक

गेल्यांत, स्वागत समारंभ जाल्यात हाचो आर्थीक भार उखलपाचें काम चंद्रकांतबाबान केलां वा तांच्याच मुख्य भरवंशाचेर ह्यो कार्यावळी उब्यो रावल्यात. तांणी तो दुडू एक तर उद्देगपतीं कडल्यान वा बरें मागप्यां कडल्यान पुंजायिल्लो आसतालो. सरकारा कडल्यान कोंकणीक पयसो मेळटा तो आतां. तेन्ना तो मेळप कठीणच आशिल्लें. चंद्रकांतबाबान पडट्या प्रसंगार कोंकणी खातीर लाखांनी दुडू हाडून दिलो. पूण ह्या वेव्हारा खातीर चळवळींतल्या केन्ना कोणें तांचे कडेन दुबावी नदरेंतल्यान पळयलें ना. तांच्या नितळ चारित्र्याचो हो एक व्हडलो गूण."[66]

तशेंच तांणी कोंकणी परिशदेचो वावर नव्यान सुरू केलो. हे परिशदे वरवीं तांणी गोंया भायल्या कर्नाटक, केरळ आनी महाराष्ट्र ह्या राज्यांतल्या कोंकणी लोकांकूय कोंकणीच्या सक्रीय वावरांत वांटेकार करून घेवपाची एक नवी प्रक्रिया चालीक लायली. ह्या योगदाना वांगडा चंद्रकांत केणींनी आपले अध्यक्षते खाला अखील भारतीय कोंकणी परिशद हें एक संस्थापन म्हूण नोंदणी केली आनी दोन वर्सा भितर ही परिशद घडोवन हाडपाचो वावर चालीक लायलो.

ह्या तांच्या कार्या विशीं सांगतना जाग म्हयनाळ्याचे आतांचे संपादक अशें म्हणटात, "*Besides training several journalists in Konkani Keni was also responsible for bringing the Hindu diaspora from Karnataka and Kerala into the mainstream of the Konkani movement in Goa*".[67]

चंद्रकांत केणींच्या पुराय कोंकणी कार्याचो नियाळ करून महाबळेश्वर सैल म्हणटात, "गोंय मेकळें जालें तेन्ना चंद्रकांतबाबां सारख्यांची तेन्ना उपस्थिती नाशिल्ली जाल्यार गोंय खंयचे खंय भरकटून वता आसलें. ताचें आयचें मनभुलयणें स्वरूप दिश्टीक पडचें नासलें. फाल्यां कोणूय मेकळ्या गोंयचो आनी कोंकणीचो इतिहास बरोवंक वयतलो तेन्ना ताच्या पानापानार तांचें नांव येतलें. कारण ते कोंकणीचे अस्मितायेच्या झुजांतले शूर सेनापती आसले. एक पुराय झूज जिखून दाखयल्ले सेनापती. ते जातीन सारस्वत आसले तरी मनान, कर्तृत्वान गोंयकार आसले. खऱ्या अर्थान ते 'अस्मितापुरूश' आसले."[68]

ताच्या संघटनात्मक कार्या विशीं राजू नायक म्हणटात, "चंद्रकांत बाबांची संघाटनात्मक कामांत कोणां कडेनूच तुळा जावंक शकना. गोंयच्या आनी गोंया भायल्या

चडशा हिंदू समाजांतल्या कोंकणी मनशांक संघटीत करून अखील भारतीय कोंकणी परिशदेच्या बावट्या खाला हाडपाचें काम तांणी केलें पत्रकारितेच्या मळार वावूरतनाय तांणी कोंकणी समाजाक एकठांय हाडपाचें काम केलां."[69]

चंद्रकांत केणींनी गोंय आनी गोंया भायल्या कोंकणी मनशांक आनी समाजाक एकठांय हाडपाचें जें संघटनात्मक कार्य केलें तें कोंकणी चळवळींतलें म्हत्वाचें आंग थारलें.

## गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळाच्या पुनर्कार्यान्वीत कार्यांत चंद्रकांत केणींचो वावर.

कोंकणी भाशा मंडळ म्हळ्यार कोंकणी एक प्रतिनिधीक संस्था आसा. हे संस्थेन गोंयचे सुटके उपरांत पयलें वयलें आठवें कोंकणी संमेलन घडोवन हाडलें. तेन्ना मडगांवचीया राजकारणाची साप वायट परिस्थिती आसली. ह्या राजकारणाक लागून कोंकणी भाशा मंडळ कांय तेपा खातीर बंद पडलें हे विशीं रवीन्द्र केळकार सांगतात, मडगांवचें राजकारण कशें चलता हाचो अदमास मडगांवा भायल्या मंडळाच्या वांगड्यांक नाशिल्लो. ताणी पेद्रु कुर्रेत आफोंसाक संमेलनाचो अध्यक्ष वेंचून काडलो. येवकार अध्यक्षाचे सुवातेर नरशिंवबाब नायक येवं येताले, पूण तांणी वेंचणूक जावचे पयलींच तांच्या चिरंजिवान-बाबून आमकां सांगून धाडलें, तांकां वेंचून काडशात जाल्यार आपूण मडगांवांत संमेलन जावंकूच दिवचों ना. परिणाम, वांगड्यांनी येवकार अध्यक्ष म्हूण म्हजें नांव मुखार काडलें. नरशिंवबाबाक दुखवलें, हांकां एक लाख रुपया म्हैसुरच्यान मेळ्ळयात म्हूण आमचेर आरोप केलो आनी सातोस्कारांक सांगलें. सातोस्कारांनी तो गोमंतकाचेर छापलें. हांवें खुलासो धाडलो ना. खंयचो हे हळशिकेंत पडलों अशें म्हाका जालें. म्हणटासर पेद्रु कुर्रेथ आफोंस आपूण अध्यक्ष जावंक तयार ना म्हणपाक लागलें. ताच्या ताळ्याक कॅन्सर जाल्लो. ताका सारकें उलोवंक येनाशिल्लें. आमी मनोहरराय सरदेसायाक अध्यक्ष केलो. मनोहरराय सरदेसायाचें भाशण टॉप जालें. ह्या एकाच भाशणान ताणें आख्खें मडगांव जिखिल्लें. ह्या संमेलनाक उमाशंकर जोशी, मंगेश पाडगांवकार सारकिल्ले मनीस हाजीर आशिल्ले."

रवीन्द्र केळेकार, सुमंत केळेकार, गुरुनाथ केळेकार आनी शंकर भांडारी हांकां मडगांवच्या राजकारणाची वीट आयली तेन्ना केशवदाद भेंब्रो मुखार येवन रवीन्द्र केळेकारांक सांगले, भाशा मंडळ हें लोकशायेन चलोवपाक जाय. देखून तें भाशा मंडळ केशवदाद भेंब्रो हांच्या हातांत पडलें. केशवदाद भेंब्रोचो आपसुवार्थ आसलो. ताणें भाशा मंडळाचीं सुत्रां आपल्या हातांत घेतलीं. तीं हातांत घेयना फुडें भाशा मंडळान क्रमीक पुस्तकां छापपा खातीर शिक्षणखात्या कडल्यान रीण घेतिल्लें. तें केशवदाद भेंब्रेन मोगान हाडले आनी आपलें निजी रीण फारीक केलें. पळेतां-पळेतां कमिटिंतल्या एकल्यान मंडळाच्यो कांय कदेली विकल्यो आनी पयशे खाले. अशे रितीन चलपी भाशा मंडळ बंद पडलें.[70]

कोंकणी भाशेच्या चळवळीचें मुखेल आंग बंद पडलां हें चंद्रकांत केणींनी पळयलें आनी तें नव्यान सुरू करपाच्या हावेसान ताणीं सगळीं सुत्रां आपल्या हातांत घेतलीं. एक वर्सा भितर तांणी सगळो भाशा मंडळाचो वावर जाग्यार घालो. कोंकणी भाशा मंडळ बंद पडप म्हळ्यार कोंकणी चळवळीचें लुकसाण हें जेन्ना चंद्रकांत केणींक जाणवलें तेन्ना कोंकणी भाशा मंडळ पुनर्जिवीत केलें. ह्या काळांत चंद्रकांत केणी चार वर्सा कोंकणी भासा मंडळाच्या अध्यक्षपदार आसले. तांच्या कार्यांत तें फुडें वाडत गेलें.

## चंद्रकांत केणी आनी साहित्य अकादेमीची मान्यताय.

1975 वर्सा कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी आनी राष्ट्रीय साहित्य उपक्रमांत हेर भारतीय भाशां बाराबर कोंकणीचो आसपाव जालो. 1975 वर्सा जरी कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी आसली तरी गोंय मुक्त जावच्या पयलीं ही मान्यताय मेळची म्हण कार्य चलिल्लें. कोंकणी भाशेंत आनी साहित्यीक चळवळींत चंद्रकांत केणी हांणी जी प्रतिश्ठा दिवपाचें कार्य केलें तातूंत कोंकणी साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळप व्हड आसा. तर कोंकणी विशीं पुस्तकां तयार करून तीं अकादेमीच्या सगल्या वांगड्यांक धाडपाक, तशेंच दिल्लीक लॉबींग करपाची वेवस्था करपा सारक्या वावरांत ताचें योगदान आसलें.

चंद्रकांत केणींक साहित्य अकादेमी हें नांव संवकळीचें दिल्लीक आसतना जालें. तो मेरेन साहित्य अकादेमी म्हळ्यार कितें, ती कसलो वावर करता हे विशीं ताका कसलीच जाणीव नासली. दिल्लीक आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचो साहित्य अकादेमी कडेन सारको लागींचो संबंद आसलो. त्या काळांत पंडीत जवाहरलाल नेहरू अकादेमीचे वांगडी आसले. खूबशे वांगडी सरचिटणीस आचार्य काकासाहेब काकलेलकारांच्या सान्निधीत येवन अकादेमीच्या वावरा विशीं आनी कार्या विशीं भासाभास करताले. ते पयले अकादेमी कोंकणी खातीर कसलें कार्य करपाक शकता हाचो विचार पयलीं जावंक नासलो.

त्या वेळार कोंकणीचे परिस्थिती विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी सांगतात, “कोंकणी चळवळीचें त्या काळाचें रूप वेगळें आसलें. गोंय स्वतंत्र जाले उपरांत कोंकणीचो प्रस्न उरतलो अशें म्हाका तरी दिसूंक नासलें. वाद तो फकत कोंकणी मराठीचो आनी ताका जाप वर्तमानपत्रांतल्यान आनी सभांतल्यान दिवपाची असो म्हजो समज जाल्लो. खरें म्हळ्यार कोंकणीचो प्रस्न हांवें सारको समजुनूय घेवंक नासलो. कोंकणी कडलो म्हजो ओडो भावनीक आसलो. भासांचें वेगळें शास्त्र आसता हें आयकून जाणा आसलों. पूण भासशास्त्राचे नदरेन कोंकणी स्वतंत्र भास हें सिद्ध करपाची कुवत म्हज्यांत नासली. एके भशेन कोंकणीची चळवळ तेन्ना वोल्तेराचेर बसून चलोवपी चळवळ आसली. तितले मजगतीं म्हज्या हातांत ‘कोंकणी भाशेचें जैत’, ‘कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ’ हीं आनी शणै गोंयबाबानी बरयल्लीं हेर पुस्तकां पडलीं. उथळ न्हंयंत देंवचें आनी एकेक पावल फुडें घालता तशी तळाची खोलाय वाडून न्हंयेंतल्या उदकाचो थर वयर चडत रावचो तशी म्हजी गत जाली. कोंकणीचो वावर करतलो जाल्यार आदीं कोंकणीचो प्रस्न समजून घेवंक जाय म्हणपाचें हांव वळखल्लों. फादर एच्. ओ. मास्करेन्यश हांणी त्याच दिसांनी ‘साद’ नांवाच्या नेमाळ्यांत कोंकणी विशीं आपलो अणभव बरयिल्लो. फादर मास्करेन्यश हांचे परस म्हजी आवतिकाय खूब बरी आसली. म्हाका कोंकणी शिकून घेवची आसली हें खरें पूण म्हाका भास येताली. म्हज्यो भावना उक्तावपा इतली उतरावळ म्हज्या संग्रहाक आसली. शिकून घेवंक जाय तें व्याकरण आनी थोडेंशें शास्त्र आनी ती मराठीची बोली न्हय हें सिद्ध करपा खातीर मराठीवाद्यांचे मुद्दे खोडपाची अक्कल. शणै गोंयबाब वाचलो आनी म्हजें ल्हानपण

म्हाका समजलें. शाळेंतल्या वर्गांत वचून भुरगो भास शिकता ते निश्ठेन आनी निर्धारान त्या दिसाच्यान हांवें कोंकणी भाशेचो अभ्यास सुरू केला."[71]

रवीन्द्र केळेकार त्या काळांत दिल्ली सोडून मुंबय रावताले. तेन्ना चंद्रकांत केणी आनी रवीन्द्र केळेकारां मदीं पत्र वेवहार चलतालो. पत्रांत चडशे विशय कोंकणी भास-साहित्य आनी फुडाराचें कार्य अशे आसताले. तशेंच रवीन्द्र केळेकार चंद्रकांत केणींक पटोवन दिताले, साहित्य अकादेमीची कोंकणीक मान्यताय म्हळ्यार कोंकणीच्या फुडारा खातीर भरवंशाची चावी. हे पयलीं केन्ना कोंकणीक अकादेमीचे मान्यतायेचो विचार जावपाक पावलो ना. ह्या काळांत कोंकणी परिशद घडोवन हाडली तातूंत रवीन्द्र केळेकारांनी कोंकणी खातीर साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळची असो थंय थाराव मांडलो.

साहित्य अकादेमीचे मान्यताये संबंदान चंद्रकांत केणींची आनी आचार्य काकासाहेब कालेलकाराची जायती भासाभास जाताली. तेन्ना चंद्रकांत केणींक अशें दिसलें की व्हड समर्थ मनीस कोंकणीचो पाखो घेवन आसले जाल्यार कोंकणी साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळूंक अडचण जावची ना. हो प्रस्न जेन्ना चंद्रकांत केणींनी काकासाहेब कालेककारां मुखार मांडलो आनी तांकां सांगलें की तुमी उतर घालें जाल्यार साहित्य अकादेमीचो खंयचोय वांगडी न्हयकारचो ना.

तेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकारांनी चंद्रकांत केणींक सांगलें, "धीर धर, योग्य वेळार कोंकणीक मान्यताय मेळटली. पूण कोणाच्या तरी बरेपणान कोंकणीक मान्यताय मेळोवप ही पुरुषार्थाची गजाल न्हय. कोंकणी भक्तांचे तपश्चर्येंतल्यान ती मेळूंक फावो. तशी मेळ्ळी जाल्यार कोंकणीचें तेज वाडटलें. आनी कोंकणी भक्तांची शक्त वाडटली." हें आयकून चंद्रकांत केणींच्या तोंडाचेर आयिल्ली निराशा पळोवन आचार्य काकासाहेब कालेलकार चंद्रकांत केणींक फुडें म्हणटात, "झाडाचेर फळ आसलें म्हणून तें काडप वा पाडप समा जावचें ना. तशे तरेन काडिल्लें फळ हरवें उरतलें आनी ताचो वास, रंग, रूच हांचो पुरायेन विकास जावचो ना. फळ पिकतलें तेन्ना आपसूक देंठा पसून झडटलें. तुमी तुमची साधना चालू दवरात. एक विसरूं नाकात. 'यथा भाषक तथा भाषा'. खंयचेय भाशेची गिरेस्तकाय पारखितलो जाल्यार ती भास उलोवपी लोकांची गिरेस्तकाय पारखिल्यार

पुरो. तुमी जितले चड तप करतले, जितले निरपेक्ष बुद्दीन आवय भाशेची सेवा करतले तितलीच तुमची भास तेजिश्ठ आनी बळिश्ठ जावंक पावतली.” [72] ही आचार्य काकासाहेब कालेलकारांची उतरां प्रेरणाकारक थारलीं आनी ते दिशेन ते कार्य आनी साधना करीत रावले.

हे मजगतीं साहित्य अकादेमीचे सेक्रेटरी म्हूण डॉ. प्रभाकर माचवे हांची नेमणूक जाली. तांकां कोंकणी विशीं खूब आपलेपण आसलें. तांचे कडेन चंद्रकांत केणी कोंकणी साहित्य अकादेमीचे मान्यताये विशीं भासाभास करताले. तशेंच डॉ. उमाशंकर जोशी हांचोय कोंकणी मान्यतायेक तेंको आसलो. साहित्य अकादेमीच्या अध्यक्षांच्या नात्यान पंडित जवाहरलाल नेहरू कोंकणी विशीं आपुलकेन कार्य करताले. तरी आसतना चंद्रकांत केणींच्या मनांत विचार येतालो की फकत थाराव पास करून आनी लेख बरोवन साहित्य अकादेमीची मान्यताय कोण कसो दितलो. तेन्ना तांणी हो आपलो दुबाव आचार्य काकासाहेब कालेलकाराच्या मुखार मांडलो. आनी चंद्रकांत केणीची ही तळमळ पळोवन काकासाहेब कालेलकारांनी तांकां समजावन सांगलें, “गोंय स्वतंत्र जातलें तेन्ना कोंकणीचो प्रस्न सुट्टलो. पूण नवे प्रस्न सुरू जातले. तशें जावप गरजेचें. भांगर कसाक लावचे आदीं उज्यांत हुलपायतात. कोंकणीकय अग्नीदिव्य करचें पडटलें. हें गोंयचे सुटके उपरांत चडटलें. त्या अग्नीदिव्यांतल्यान कोंकणी चोख तरेन भायर सरची म्हणून तुमी तिची सेवा करूंक जाय. तिची शक्त वाडोवंक जाय. हेरांनी मान्यताय दिवचे आदी कोंकणी लोकांच्या काळजांत तिका प्रतिश्ठा मेळोवन दिवंक जाय. त्या वावरांत तुमी एकाग्र चित्तान लागले जाल्यार निमाणें जैत तुमचेंच आसा.”[73]

तेन्ना चंद्रकांत केणींक समजलें, जो मेरेन गोंय स्वतंत्र जावचें ना तो मेरेन कोंकणीचो उद्धार जावचो ना. कित्याक तर भुंये बगर झाड जायना. तोच न्याय भाशेकूय लागता. देखून त्या दिसा सावन तांणी कोंकणीचो वावर दोट्टीन चालू केलो.

अशे तरेन 1961 वर्सा गोंय स्वतंत्र जालें. गोंय मुक्त जातकच काकासाहेब कालेलकारांनी सांगिल्ले प्रमाण गोंयांत वाद सुरू जाले. कोंकणीक अग्नीदिव्यांतल्यान परिक्षा

दिवन तिका लोकांच्या काळजांत प्रतिश्ठा जोडची पडली. तातूंत ओपिनियन पोल जालो. ओपिनियन पोलाच्या जैतान गोंय एक स्वतंत्र संघप्रदेश जालो आनी कोंकणी राजभास जाली. आनी साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी. तशेंच साहित्य अकादेमीचे वांगडी ह्या नात्यान तांणी कांय वर्सां भारतीय साहित्य अकादेमीक आपली सेवा दिली.

## राष्ट्रभाशे विशीं चंद्रकांत केणींचें कार्य.

ल्हानपणा सावन चंद्रकांत केणींक बरोवपाची आनी वाचनाची गोडी आसली. वाचनाचे ओडीक लागून तांणी तरा तरांचें साहित्य वाचलें आनी ताकाच लागून विंगड-विंगड भासो ते शिकले. तातूंत एक हिंदी भास आसली. देखून चवदा वर्सांचे पिरायेर तांणी हिंदी भाशेचें अध्यापन करपाक सुरवात केली आनी उपरांत तांणी 'राष्ट्रभाशा रत्न' ही परिक्षा दिवन ती पास जाले.

उपरांत जेन्ना चंद्रकांत केणी दिल्लींत आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत रावपाक गेले तेन्ना हिंदी भाशेंत तांकां नवो आयाम मेळ्ळो. दिल्लीक आसतना आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या संपादके खाला उजवाडाक येवपी 'मंगल प्रभात' हें पत्रक हिंदी भाशेचो प्रचार प्रसार करतालें. हे पत्रिकेच्या हस्त लेखनाचें कार्य चंद्रकांत केणी पळयताले. जाका लागून हिंदी भाशे कडेन तांचें एक नातें निर्माण जालें. उपरांत तांणी हिंदींतल्यान साहित्य बरोवपाक सुरवात केली. तातूंत तांणी हिंदींतल्या 'नई कहानियाँ', 'साप्ताहीक', 'हिंदूस्थान', 'धर्मयुग' हातूंत आपल्यो कथा उजवाडाक हाडल्यो.

जें ते हिंदींतल्यान बरोवपाक लागिल्ले तें बंद करूंक नासलें जाल्यार ते हिंदी साहित्यांत एक व्हड कथाकार म्हूण नामना जोडटले आसले. ह्या संबंदान रवीन्द्र केळेकारांनी अशें विधान केलां, "कथेच्या मळार चंद्रकांत केणीक कथांचो भीष्माचार्य मानूंक जाय. कोंकणींत हजार बाराशें तरी कथा ह्या एकाच कथाकारान बरयल्यात. त्यो ताणें मराठींत वा हिंदींत बरयल्ल्यो (दोनूय भासो तांकां येतात) जाल्यार ते मराठी कथाकार वा हिंदी कथाकार म्हूण नांवजते जातले आशिल्ले."[74]

तशेंच राष्ट्रभाशे विशीं ते एका आदर्श आसले. सप्टेंबर 17, 1999 संवसारीक हिंदी संमेलन जें लडनांत जाल्लें तातूंत केल्ल्या उलोवपांत, तांणी म्हळें, “Hindi would not become the national language if it tried to bypass regional languages….. Regional languages in India would have to play a dominant role in evolving Hindi as a national language. Hindi would not be the world language unless and until it received its due place and dignity in its homeland.”[75]

तशेंच राष्ट्रभाशे विशीं तांकां खासा मोग आसलो. 1962 ते 1974 ह्या काळांत गोंयांत राष्ट्रभाशा हिंदीचो प्रचार आनी प्रसार करपा खातीर दोन संस्था स्थापीत जाल्यो. तातूंत पयली ‘गोवा राष्ट्रभाशा प्रचार समिती’ ही श्री. मोहनदास सुर्लकार हाणें स्थापन केली तर दुसरी ‘गोमंतक राष्ट्रभाशा सभा’ ही श्री. माधव पंडितान स्थापन केली. ह्यो दोनूय संस्था आप-आपले वतीन राष्ट्रभाशा हिंदीची सेवा करी. चंद्रकांत केणींनी ह्या दोनूय संस्थांच्या कार्याचेर बारकायेन विचार केलो आनी ह्या निश्कर्शाचेर पावले, गोंया सारक्या एका ल्हान प्रदेशांत राष्ट्रभाशा हिंदीचो प्रचार-प्रसार करपाक दोन वेगळ्यो वेगळ्यो संस्था कित्याक जाय? दोनाय संस्थांचे लक्ष्य एक आसलें, देखून राष्ट्रभाशा हिंदीचो प्रचार-प्रसार करपाक एकूच संस्था पुरो. हो विचार तांणी श्री. मोहनदास सुर्लकार हाजे कडेन केलो. पूण श्री. मोहनदास सुर्लकार हाणें न्हयकारात्मक जाप दिता आसतना चंद्रकांत केणींक म्हळें, “आमी दोन संस्थाची एक संस्था करपाक गेले जाल्यार गोंयांत हिंदीच्यो तीन संस्था जायत म्हूण म्हाका भिरांत दिसता.” ताचे मुखार ह्या विशयाचेर आनीक भासाभास जाली ना. पूण हो विशय हांगा सोंपलो ना. चंद्रकांत केणींनी दोनूय संस्थांचें कार्य नियाळून, दोनूय संस्था एकठांय हाडपा खातीर ताचें उलोवप श्री. माधव पंडिता कडेन केलें. उपरांत आठ-धा वर्सांनी जर हो विचार तांणी गोंयच्यो मुखेलमंत्री श्रीमती. शशिकला काकोडकारा मुखार मांडलो. ह्या विचाराक जेन्ना सगळ्यांची संमती मेळ्ळी तेन्ना श्री. मोहनदास सुर्लकार, श्री. माधव पंडित आनी चंद्रकांत केणी हे एकठांय येवन दोनाय संस्थांची एक संस्था केली आनी तिचें नांव दवरलें, ‘गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापीठ’(1974). ‘गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापीठ’ ही संस्था घडोवपाक चंद्रकांत केणींचो व्हड हातभार लागलो. मडगांव ज्या कोमुनिदाद

बिल्डिंगेंत 'गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापीठा'ची कचेरी आनी ग्रंथालय आसा तो जागो मेळोवन दिवपाचें कार्य चंद्रकांत केणींनी केलें. उपरांत 1974 पसून वीस-पंचवीस वर्सां मेरेन चंद्रकांत केणी गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापिठाचे कार्याध्यक्ष आसले. गोमंतक राष्ट्रभाशा विद्यापिठाचें कार्य करता आसतना 1980 वर्सा 'गोमांचल' नांवाचें हिंदी त्रैमासीक सुरू केलें आनी तें आयज मेरेन प्रकाशीत जाता. जें गोंयचें एकमेव हिंदी पत्रक आसा.

शिक्षकांक, प्रचारकांक आनी विद्यार्थ्यांक उर्बा हाडपा खातीर 'गोमांचल' हें हिंदींत तीन म्हयन्यांनी नेमान भायर सरता. गोंयच्या कथाकारांची उत्तम कथा हिंदींतल्यान अणकारीत करून तातूंत उजवाडाक हाडपाचो उपक्रम चंद्रकांत केणींनी सुरू केलो. हें कार्य जर नियाळून पळेलें जाल्यार चंद्रकांत केणींचो राष्ट्रभाशा हिंदी विशीं मोग दिसून येता.

'गोमांचल' नांवाचें हिंदी त्रैमासीक सुरू करपा फाटल्या चंद्रकांत केणींच्या उद्दिश्टां विशीं उलयता आसतना, मोहनदास सुर्लकार म्हणटात, "वेगळ्या-वेगळ्या भाशांतले उत्कृश्ट साहित्य रचनांचे अनुवाद प्रणालींतल्यान दिवप घेवप जावपाक जाय. त्या दृश्टीन बऱ्या साहित्याचो अनुवाद जावपाक जाय. भारतांतल्या खंयच्याय प्रादेशीक भाशेंतलें उत्कृश्ट साहित्य जर दुसऱ्या भारतीय भाशांनी वतलें तर तांचो अनुवाद हिंदी भाशेंत जावपाकूच जाय ही तांच्या विचाराची मोख आशिल्ली. एकदां बरी साहित्य रचना हिंदींत पावली की ती थंयच्यान दुसऱ्या भारतीय भासांनी वचपाक सोंपे जाता ही तांची धारणा आशिल्ली."[76]

हिंदी प्रचाराचे नदरेंतल्यान तांचें हें योगदान खऱ्यांनीच मोलादीक थारता. चंद्रकांत केणींच्या यत्नांक लागून पणजेच्या इंस्टिट्यूट मिनेझिज ब्रागांझा हे संस्थेची पुनर्रचना जाली. आनी हे संस्थेन जें हिंदी प्रसाराचें काम केलें ताची बुन्याद चंद्रकांत केणींनी घाली.

ह्या तांच्या हिंदी कार्या संबंदान गोमंतक राष्ट्रभाषा विद्यापीठाचे सचीव विनायक नार्वेकार म्हणटात, "हिंदी प्रसाराचें कार्य स्वतंत्रपणान करपा खातीर दोन संस्थानांक एकठांय हाडपाचें 'गोमंतक राष्ट्रभाषा विद्यपीठ' स्थापन करपाचें म्हत्वाचें काम तांणी केलां. हिंदीच्या प्रचारक शिक्षकां खातीर केणींचें कार्य प्रेरणादायी आसा."[77]

चंद्रकांत केणी कोंकणी चळवळींत जितले वावुरल्यात तितलीच ही चळवळ लागसून पळयल्या. हे विशीं ते म्हणटात, "स्वतंत्र गोंयच्या राजकी, समाजीक इतिहासाचो हांव एक लागशिलो साक्षीदार. एक पत्रकार ह्या नात्यान कोंकणी चळवळीचो कार्यकर्तो ह्या नात्यान, एक लेखक ह्या नात्यान आनी स्वाभिमानी गोंयकार ह्या नात्यान, गोंयचे भौशीक जिणेंत वावुरतना जें कितें घडलें तें हांवें दोळ्यांनी पळयलें, कानांनी आयकलें आनी मनान अणभवलें. त्या इतिहासांतल्या कांय घडणुकांक दिशा दिवपाचो वावरय म्हज्या हातांतल्यान घडूंक पावलो."[78] कोंकणी चळवळींत चंद्रकांत केणींचें व्हड योगदान आसा. गोंय हो एक वेगळो प्रदेश आनी कोंकणी ताची भास हें सिद्ध करपाक ते खूब वावुरल्यात.

## निश्कर्श:

चंद्रकांत केणींच्या युगीन परिवेशाचो अभ्यास केले उपरांत ह्या निश्कर्शाचेर पावतात की चंद्रकांत केणी आपल्या युगीन परिवेशा अंतर्गत कोंकणी भास, प्रदेश हांच्या अस्तित्वाची राखण करपा खातीर वावूरल्यात. कोंकणीचो पयलो वयलो दिश्टावो कांसावले गांवांत गांधी अस्थींच्या विसर्जना वेळार केल्ल्या उलोवपांतल्यान जालो. आचार्य काकासाहेब कालेलकारां सारक्या व्यक्तींचो प्रभाव तांचेर जालो. कोंकणी खातीर वावर करता आसतना गोंयांत ओपिनियन पोल हाडून तो जिखसर केल्लें कार्य व्हड आसा. गोंयच्या अस्तित्वाची लढाय जिखपा खातीर 'राष्ट्रमत' हें दिसाळें सुरू केलें. हिंदू भोवजन समाजाच्या एका वांट्याचें जें मतपरिवर्तन जालें आनी गोंय जनमत कौल जिखूंक पावलें ताचें खूबशें स्त्रेय राष्ट्रमताक फावो जाता. गोंयांत कोंकणी चळवळ चलता आसतना गोंया भायलो कोंकणी समाज संघटीत करपाचो वावर तांणी केला. कर्नाटक, केरळ आनी महाराष्ट्रांत शिंपडिल्ल्या कोंकणी लोकांक एका सुत्रांत बांदपाचें आनी तांकां एके माचयेर हाडपाचें कार्य केलें. देखून निश्कर्श स्वरुपांत चंद्रकांत केणी एक बरे संघटनात्मक वृत्तीचे आसले अशें म्हणपाक जाता. 1960 दसकाचे अखेरेक कोंकणी भाशा मंडळाचो वावर बंद पडलो. ते संस्थेची तशी दशा जावप म्हळ्यार कोंकणी चळवळीचें लुकसाण आसा देखून तांणी ती संस्था पुनर्जिवीत केली. तशेंच साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळोवपाच्या वावरांत आनी राष्ट्रभाशेच्या

प्रचाराच्या कार्यांत तांचें योगदान मोलादीक आसा. देखून निश्कर्श स्वरुपांत अशें म्हणूं येता की कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी चळवळींत कोंकणी प्रदेश आनी भाशे खातीर केल्लो वावर खूब व्हड आसा.

***

**संदर्भ.**


1. Gregar, R. S. Mc. The Oxford Hindi English Dictionary. The Oxford Publication, New-York; 1997. पान क्र. 609.
2. Thali, Prakash. and Ghanekar, Damodar (संपादक), Rajhauns New Generation English Konkani Dictionary, Rajhauns Vitran, Panaji-Goa; 4th editor 2007, पान क्र. 533, 226, 54.
3. Raghava, Sulochana Rangeya. Sociology of Indian Literature: *A sociological study of Hindi novel*. Rawat Publication, Jaipur; 1987. पान क्र. 25.
4. डॉ. जोशी, वसंत स. भाषा व साहित्य संशोधन. मराठी साहित्य परिषद, पुणे; 1981. पान क्र. 374.
5. चंद्रकांत, केणी.: मुलाखत.
6. ... जाग. जानेवरी 1999.पान क्र. 20. लेखः म्हाका कोंकणीची दिक्षा कोणें दिली? : केणी, चंद्रकांत.
7. तत्रेव;
8. ...जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 18. लेखः चंद्रकांतबाब केणी... एक जिवीतयात्राः सरदेसाय, मनोहराय.
9. ...जाग. जानेवरी 1999. पान क्र. 21. लेखः म्हाका कोंकणीची दिक्षा कोणें दिली? : केणी, चंद्रकांत.
10. तत्रेव;
11. केळेकार, रवीन्द्र. सर्जकाची आंतरकथा. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 2000. पान क्र. 68-75.
12. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. 6 - 9. लेखः चंद्रकांत केणीः पुर्वचरितः केळेकार, रवीन्द्र.
13. चंद्रकांत, केणीः मुलाखत.
14. ... जाग. फेब्रुवारी 2009. पान क्र. 7. लेखः एका इश्टाची कथाः म्हांबरो, अ. ना.

15. केळेकार, रवीन्द्र. आधुनिक भारत के निर्माताः काकासाहेब कालेलकर. सुचना और प्रसारण मंत्रालय, भारत-सरकार; 1990. पान क्र. 534

16. ... जाग. जानेवरी 1999. पान क्र. 20 - 21. लेखः म्हाका कोंकणीची दिक्षा कोणें दिली? : केणी, चंद्रकांत.

17. ... जैत, दिवाळी 2009. पान क्र. 95. केणी, चंद्रकांतः मुलाखत.

18. ... जाग. जानेवरी 1999. पान क्र. 22. लेखः म्हाका कोंकणीची दिक्षा कोणें दिली?: केणी, चंद्रकांत.

19. ... जाग. दिवाळी नातालां अंक 2009. पान क्र. 17 लेखः चंद्रकांत केणीः जिवीत आनी कार्यः नायक, प्रकाश.

20. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 36. लेखः चंद्रकांतबाबान व्हड उद्योजकांक कोंकणी वाटेन हाडलेः मावजो, नारायण.

21. ... सुनापरान्त, फेब्रुवारी 4, 2009. पान क्र. 2.

22. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. संपादकीय.

23. प्रा. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. (संपादक). पुरुषोत्तम काकोडकार गौरव ग्रंथ. अपुर्बाय प्रकाशन, वळवय, फोंडें-गोंय; 1988. पान क्र. 44.

24. ... जाग. जानेवरी 1998. पान क्र. 22.

25. ... जाग. फेब्रुवारी 1999. पान क्र. 21. लेखः राष्ट्रीय मान्यताये खातीर पुर्वतयारीः केणी, चंद्रकांत.

26. ... कुळागर, ऑगस्ट 1985. पान क्र. 4. उतरांचो संसार - 3ः एक दिसपट्टीः भांगी, पांडुरंग.

27. केळेकार, रवीन्द्र. भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र. अणकार आनी संपादनः डॉ. दुभाषी, अरुणा. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2008. पान क्र. 100.

28. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). गोवा, कोंकण आणि महाराष्ट्र. नव गोमंत प्रकाशन; 1964. पान क्र. 20.

29. ... कोंकण टायम्स, एप्रिल-जून 2003. पान क्र. 3-4. लेखः कोंकणी हीच गोंयच्या घटक राज्याची बुन्यादः केणी, चंद्रकांत.

30. ... जाग. फेब्रुवारी 1999. पान क्र. 21-22. लेखः राष्ट्रीय मान्यताये खातीर पूर्वतयारीः केणी, चंद्रकांत.

31. ... कुळागर, दिवाळी अंक 1986. पान क्र. 25-27. लेखः संघप्रदेश, सार्वमत आनी घटकराज्यः काकोडकार, पुरुषोत्तम.

32. डॉ. नागवेकार, हरिश्चंद्र. (संपादक). कौल. ओपिनियन पोल दशकपूर्ती विशेश अंक 1977. उजवाडावपीः डॉ. नागवेंकार, हरिश्चन्द्र. पान क्र. 18.

33. ... बिम्ब दिवाळी अंक 1999. पान क्र. 36-42. केळेकार, रवीन्द्रः मुलाखत.

34. ...जाग. मार्च 2009. पान क्र. 16. लेखः दोन घडणुको..........: भेंब्रे, उदय.

35. ...केणी, चंद्रकांत.: भासाभास.

36. ...जाग. फेबुवारी 1999. पान क्र. 21. लेखः राष्ट्रीय मान्यतायेखातीर पूर्वतयारीः केणी चंद्रकांत.

37. काणेकर, सदानंद सीताराम. ओपिनियन पोल, त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2005 पान क्र. 76.

38. ...जाग, दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 34 - 44. लेखः राष्ट्रमत कितलेंशें गोंयमत?: कुंकळयेकार, सुशांत.

39. ...जाग. मार्च 1999. पान क्र. 20. लेखः शिंवाचे घोलींत पांय दवरपाचें धाडसः केणी, चंद्रकांत.

40. काणेकार, सदानंद सीताराम, ओपिनियन पोल. त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2005. पान क्र. 29.

41. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. (संपादक). कौल. ओपिनियन पोल दशकपुर्ती विशेश अंक 1977. उजवाडावपीः डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. 1977. पान क्र. 41.

42. ...... जाग. फेब्रुवारी 2007. नदर संपादप्याचीः 'स्वगत' कित्याक बंद केलें? केळेकार, रवीन्द्र. पान क्र. 2.

43. ... जाग, दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 34 - 44. लेखः राष्ट्रमत कितलेंशें गोंयमत? कुंकळयेंकार, सुशांत.

44. ... जाग, फेब्रुवारी 1999. पान क्र. 22. लेखः राष्ट्रीय मान्यताये खातीर पूर्वतयारीः केणी, चंद्रकांत.

45. Rodriguese, Maria Do Ceu. Opinion Poll in Goa: An Evalution. *The thesis submitted to Goa University in Political-Science*. 1996. पान क्र. 48.

46. काणेकार, सदानंद सीताराम. ओपिनियन पोल. त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2005. पान क्र. 59.

47. ...जाग, फेब्रुवारी 2009. पान क्र. 13. लेखः चंद्रकांतबाबः एक कर्तुत्वी व्यक्तीः करमली, नागेश.

48. ...जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. संपादकीय.

49. ...जाग, दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 34 - 44. लेखः राष्ट्रमत कितलेंशें गोंयमत? : कुंकळयेंकार, सुशांत.

50. तत्रैव;

51. काणेकार, सदानंद सीताराम. ओपिनियन पोल. त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2005. पान क्र. 59 - 60.

52. ... जाग, दिवाळी अंक 2004. पान क्र. 34 - 44. लेखः राष्ट्रमत कितलेंशें गोंयमत? : कुंकळयेकार, सुशांत.

53. तत्रैव;

54. ...जाग, दिवाळी 2004. वावुरपी संपादकाचीं दोन उतरां.

55. ...जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 32 - 33. लेखः चंद्रकांतबाब ! खोशेयेंत गेल्ले राष्ट्रमतांतले ते दीसः डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र.

56. ...... कोंकण टायम्स, एप्रिल-जून 2003. पान क्र. 3 - 4. लेखः कोंकणी हीच गोंयच्या घटक राज्याची बुन्यादः केंणी, चंद्रकांत.

57. ...जैत, दिवाळी अंक2009. पान क्र. 11 -13. लेखः अ व्हिजनरीः कामत, दिगंबर.

58. ...स्मरणिका. चवथें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन. 2001. पान क्र. 30. लेखः कोंकणी चळवळीक दिवचल सत्तरी......: काणेकार, सदानंद.

59. ...बिम्ब. दिवाळी अंक 1999. पान क्र. 35 - 42. रवीन्द्र, केळेकारः मुलाखत.

60. ...The Navhind Times. Panorama. January 20, 2008. पान क्र. 6. लेखः Man behind the opinion poll: Keni, Chandrakant.

61. ...कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. 21 लेखः चंद्रकांतबाब केणीः दुरदृश्टीचो फुडारी!: नायक, पुंडलीक ना.

62. .. जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 56. लेखः अस्मितापुरूशः सैल, महाबळेश्वर.

63. ...जाग, दिवाळी-नातलां 2009. पान क्र. 9 लेखः चंद्रकांत केणीः केळेकार, रवीन्द्र.

64. तत्रैव;

65. ...जाग, फेब्रुवारी 1999. पान क्र. 23. लेखः राष्ट्रीय मान्यताये खातीर पूर्वतयारीः केणी. चंद्रकांत.

66. ...कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. 22. लेखः चंद्रकांतबाब केणीः दुरदृश्टीचो फुडारी ! : नायक, पुंडलीक ना.

67. ... The Navhind Times, 4 February 2009, लेखः Noted Konkani writer Chandrakant Keni no more.

68. ...जैत, दिवाळी अंक 2009, पान क्र. 57, लेखः अस्मितापुरूशः सैल, महाबळेश्वर.

69. ...सुनापरांत, फेब्रुवारी 4, 2009.

70. ...कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान क्र. 11. लेखः चंद्रकांत केणी उत्तरचरीतः केळेकार, रवीन्द्र.

71. ...जाग. फेब्रुवारी 1999. पान क्र. 20 - 23. लेखः राष्ट्रीय मान्यताये खातीर पूर्वतयारीः केणी, चंद्रकांत.

72. तत्रैव;

73. तत्रैव;

74. ... जाग, फेब्रुवारी 2009. पान क्र. 6. लेखः नव्या पर्वाच्या हुमऱ्या वयल्यान.....: केळेकार, रवीन्द्र.

75. ...Goa Today, March 2009: special edition on Chandrakant Keni: Great Goan Gone. पान क्र. 5.

76. ...जैत, दिवाळी अंक 2009. पान क्र. 61. लेखः 'चंद्रकांतः गोंयांतलो हिंदी भाशेचो प्रसारः' सुर्लकार, मोहनदास.

77. ...गोमन्तक, फेब्रुवारी 4, 2009.

78. ...कोंकण टायम्स, एप्रिल-जून 2003. पान क्र. 3 - 4. लेखः कोंकणी हीच गोंयच्या घटक राज्याची बुन्यादः केणी, चंद्रकांत.

## 2.3 चंद्रकांत केणींचे कथेंत पडबिंबीत जावपी गोंय:

साहित्यीक हो एकाद्र्या खंयच्याय वाठारांत वा प्रदेशांत रावता. पूण संवेदनशील रचनाकार ह्या नात्यान साहित्यकार आपले भोंवतणी पळयता. ज्या समाजांत तो रावता, ज्या वातावरणांत तो वावूरता त्या सगळ्यांचो प्रभाव ताच्या साहित्यांत दिसता. कथाकार चंद्रकांत केणीं ह्या गोंयकाराची जीण मुखेलपणान तीन वाठारांनी वा प्रदेशांनी घडल्या.[1] तातूंत गोंय, मुंबय आनी दिल्ली मुखेल आसात. देखून तांच्या कथा साहित्यांतल्या विंगड-विंगड वाठारांतलें वा प्रदेशांतलें वातावरण पडबिंबीत जाता. देखून कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी गोंयचो सोद घेवप, तशेंच तांच्या कथांनी गोंयचो प्रदेश वा वाठार कसो दिसता हो सोद म्हत्वपूर्ण थारता आसलो तरी तें भोव कठीण आसा. कारण तांच्या कथांक संवसारीक बसका आसा. ह्या संबंदान विश्वकोशांत नोंदणी मेळटात ती अशी, “हेर कोंकणी कथांवरी तांची कथा चडशी थळावी वा प्रादेशीक न्हय. ताचे कथेंत वैश्वीक (universal) बसका आसा, अशें कांय जाणकारांचें मत आसा.”[2] ह्या विधानाची विस्कटावणी केली जाल्यार अशें दिसून येता की तांचे कथेच्या प्रादेशीक तत्वां विशीं उलयता आसतना ‘चडशीं’ हें उतर वापरलां देखून कांय थोड्या प्रमाणांत गोंयचो वाठार दिसता अशें म्हणपाक जाता.

कथाकार चंद्रकांत केणींचे लघुकथेंत गोंय कशें पडबिंबीत जालां हें पळोवचे पयलीं, वाठार म्हळ्यार कितें तें पळोवन ताची परिभाशाय समजून घेवप गरजेची थारता. ताच्या हेर आंगांचो विचार करप म्हत्वपूर्ण थारता.

**कोंकणी इंग्लेज डिक्शनरींत:**

वाठार शब्दाचो अर्थ- region, प्रदेश, प्रांत असो मेळटा.[3]

**इंग्लेज-कोंकणी शब्दकोश :**

हातूंत गुरूनाथ केळेकार ‘region’ शब्दाचो अर्थ ‘प्रदेश’, ‘वाठार’ असोच दिता.[4]

**कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश :**

प्रदेश ह्या शब्दाचो अर्थ दामोदर केशव घाणेकार असो दितात - प्रदेश, (पु), वाठार, विभाग, प्रांत, क्षेत्र, देश.[5]

**प्रमाणिक हिन्दी कोश :**

हातूंत प्रदेश शब्दाची परिभाशा अशी मेळटा, "प्रदेश- 1, *किसी देश का वह विभाग जिसके निवासियों की भाषा रहन-सहन व्यवहार, शासन-पद्धति आदि औरों से भिन्न और स्वतंत्र हो*."[6] प्रदेश म्हळ्यार खंयच्याय देशाचो एकाद्रो विभाग. जातूंत रावपी लोकांची भाशा, राबितो, वेव्हार, शासन-पद्धती, बी हांचे पसून वेगळी आनी स्वतंत्र.

ज्या वाठारांत वा प्रदेशांत जें साहित्य घडटा तातूंत त्या वाठाराचें वा प्रदेशाचें पडबिंब दिसलें जाल्यार तें साहित्य म्हळ्यार प्रादेशीक साहित्य अशें मानचें. प्रादेशीक साहित्याक इंग्लेज भाशेंत (regional litorature) 'रिजनल' साहित्य अशें म्हणटात.

**डिक्शनरी ऑफ लिटररी टर्म** (dictionary of literary term):

हातूंत एन. पी. पाठक (Pathak) 'रिजनल लिटरेचर' म्हळ्यार प्रादेशीक साहित्य मानतात आनी ताची परिभाशा अशी दितात, -"Writing that present the habits speech, manners, customs and historical background of the geographical area in which the story takes place."[7]

प्रादेशीक साहित्य म्हळ्यार बरोवपाक जातूंत एकाद्री कथा घडपा खातीर इतिहासीक फाटभुंयेचेर आदारीत एकाद्र्या विशिश्ट प्रदेशांतल्या भौगोलीक वाठारा वांगडा थंयची वस्ती, भाशा, सभ्यता, चाली-रिती ह्या सगळ्यांच्या आदाराचेर जी कथा घडटा तें साहित्य म्हळ्यार रिजनल साहित्य. प्रादेशीक साहित्या विशीं उलयता आसतना प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय म्हणटात, "संवसारांतलें खंयचेंय साहित्य, जावं पोरणें, जावं नवें, प्रादेशिकूच आसता. प्रादेशिकताय नाशिल्लें साहित्य संवसारांत नाच म्हळ्यार जाता. रामायण, महाभारत सारक्या पोरण्या साहित्यांत लेगीत प्रादेशिकताय दिश्टी पडटा. टॉलस्टॉय, गोर्की, मोपासाँ, चेकोव्ह हांच्या कथा साहित्यांत जाल्यार प्रादेशिकताय रसरसता, प्रादेशिकतायेचें हें वेगळेपण हो कथा साहित्याचो sine qua non गूण. प्रादेशिकताये बगर कथा साहित्य आसूंच नज. जे मेरेन पुराय संवसाराची भास एक जावंक ना, सगळ्या मनशांचो धर्म एक जावंक ना, सगळ्यांचो सभाव एक जावंक ना, रंग, रूप, आकार एक जावंक ना, सगळें सैम एके तरेचें जावंक ना ते मेरेन ललीत साहित्य प्रादेशिकूच उरतलें."[8]

प्रादेशीक साहित्या विशीं उलयता आसतना कोंकणी अभ्यासक डॉ. चंद्रलेखा डिसौझा अशें म्हणटात, “प्रादेशीक साहित्यांत समाज आनी संस्कृतीची अभिव्यक्ती खर प्रमाणांत जाता. खरें म्हळ्यार प्रदेशाच्या साहित्यरुपी प्रासादाचो आदार त्या प्रदेशाचे जनजातीचो समाज आनी संस्कृतीच आसता. हेच फाटभुंयेचेर तांचें साहित्य घरांतल्यान तांच्या नियामळ तत्वांतल्यान पुराय जिवनाची अभिव्यक्ती करपा खातीर त्या समाजाच्या पुराय परिवेशाचे कृतीचे कथा धागे विणटा. जेन्ना साहित्यकारा कडेन ती विशिश्ट नदर आसता तेन्ना असलें लेखन तो करूंक शकता. ज्या प्रादेशिक साहित्यकारा कडेन ही विशिश्ट विज्ञानीक नदर नासता तो हें असलें साहित्य बरोवंक पावचो ना. ह्याच कारणाक लागून संस्कृतीक आनी सामाजीक अभिव्यक्ती प्रादेशीक साहित्यांतल्यान चड प्रमाणांत जाता. तातूंतल्यान त्या वाठाराचें सामाजीक, अर्थीक, राजनितीक, धार्मीक, सांस्कृतीक आनी शिक्षणीक उपादानचें व्यापक चित्रण मेळटा.”[9]

प्रादेशिकतायेच्या प्रवृत्ती स्वरुपा विशीं उलयता आसतना मदन कुळकर्णी म्हणटात, “प्रादेशिकताय म्हळ्यार सैमीक वा संस्कृतीक वातावरणाक म्हत्व दिवपाची प्रवृत्ती आसा. प्रादेशिकताय म्हळ्यार विशिश्ट प्रदेशाची संस्कृती, भाशा, थंयची समस्या, सामाजीक जीण आनी सैम हांच्या वर्णनांक लागून त्या प्रदेशाक लागिल्लें असामान्य वेगळेपण आसता.”[10]

प्रा. डॉ. बाळकृष्णजी कानोळकार आपल्या प्रबंदांत (प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाई यांची कथा: एक शोध) हातूंत प्रादेशिकतायेचीं तत्वां सांगता आसताना डॉ. मदन कुलकर्णी हांच्या प्रादेशिकतायेच्या तत्वांचो उल्लेख करतात. डॉ. मदन कुलकर्णीनी प्रादेशिकतायेचीं स तत्वां सांगल्यांत. तातूंत-

1. भौगोलिकताय.
2. मागिलपण आनी समस्या.
3. सैम.
4. लोकसंस्कृती.
5. सामुहिकताय.
6. भाशा.[11]

भौगोलीक नदरेन गोंय हें भारतीय संघराज्यांतलें पंचविसावें घटक राज्य, जें दर्या कुशीकचें ल्हानशें राज्य आसा. आकाराचे दृश्टीन गोंय त्रिकोणी दिसता. उत्तरे वटेन महाराष्ट्र, दक्षीण आनी उदेंते वटेन कर्नाटक आनी अस्तंते वटेन अरबी दर्या आसा. गोंय सौंदर्याचे नदरेन खुबूच सोबीत आनी सुंदर आसा. देखून इतिहास गवाय दिता, हांगा जायत्या लोकांनी आपलें साम्राज्य उबें केलें. क्षेत्रफळांत गोंय 3,702 चौखण किलोमिटर आसा.

गोंयच्या कोंकणी साहित्या विशीं आनी साहित्यांत दिसपी प्रादेशिकताये विशीं सांगता आसतना एन शिवदास म्हणटात, “गोंयकार साहित्यीक हो मुखेलपणान प्रादेशीक बरोवपी अशेंच म्हणचें पडटलें.”[12]

कथाकर चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्याचो विचार केलो जाल्यार तांचें कथा साहित्य संवसारीक तत्वांचेर आदारून आसा. तांचे लिखणेंत गोंय एक वेगळे अस्मितायेचो प्रदेश हो आग्रो दिसतालो. पूण तांच्या कथा साहित्यांत मात प्रादेशिकतायेची वंय मान्य नासली. तांची कथा संवसारीक तत्वां कडेन नातें जोडटाली.

प्रादेशीक साहित्या विशीं उलयता आसतना कथाकार चंद्रकांत केणी म्हणटात, “साहित्य हें जितलें थळावें (रिजनल) तितलें ते संवसारीक (युनिवर्सल) जावंक पावता, अशें म्हणटात तें लटकें न्हय. संवसारांत जें जें साहित्य तग धरून उरलां वा लोकांच्या काळजांत मानाची सुवात जिखूंक पावलां तें सगळें साहित्य हें थळावे मातयेचो वास वेंगायिल्लें साहित्य जावन आसा.”[13]

कथाकार चंद्रकांत केणी हे कोंकणी देवनागरी लघुकथेच्या साहित्याचो आदिजनक म्हूण जायते जाण पाचरतात. तातूंत पुंडलीक नायक, हरिश्चंद्र नागवेंकार, दामोदर मावजो हे ह्या मताचे आसात.[14] कथाकार चंद्रकांत केणींनी जी कोंकणी लघुकथा साहित्याची जी रचना केल्या तांची संख्या व्हड आसा.

कोंकणी लघुकथेचो अभ्यास प्रादेशीक साहित्या अंतर्गत केलो जाल्यार दामोदार मावजो आनी पुंडलीक नायक हांचे सारक्या कथाकारांच्या कथेचें वैशिश्ट्य म्हळ्यार तांच्या कथांनी प्रादेशिकताये वांगडा गांवगिरेपण सारकें नदरेंत भरता.[15]

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत दिसपी गोंयच्या वाठारा विशीं उलयता आसतना दामोदर मावजे अशें मत दितात, “केणीबाब मूळ साश्टींतल्या कांसावले गांवचे. तांच्या कथांनी हें वातावरण येता. हांगसल्लीं मनशांय दिश्टी पडटात.”[16]

पूण जे तांचे कथा संग्रह जाल्यात तातूंत गोंय, गोंयचो वाठार आनी मनीस वा समाज खूब मर्यादीत स्वरुपांत येता. देखून तांच्यो कथा ह्यो प्रादेशीक कथा म्हणपाक समा जावचें ना. कारण तांची कथा ही संवसारीक पांवड्यावेली आसा. ह्या संबंदान प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय कोंकणी कथा संग्रहांतले प्रस्तावनेंत कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथां संबंदान उलयता आसतना अशें बरयतात, “तांच्या (चंद्रकांत केणी) कथांची तरा वगेळी. थंय कोंकणी अस्मितायेची जाण कमी आसता.”[17]

कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो चडश्यो कथा ह्यो एका खंयच्या वाठारांतल्यो अशें सांगप भोव कठीण, कित्याक त्यो कथा एकाद्र्या थारावीक वाठारांत घडनात. तांच्यो कथा ह्यो वेगळ्या वेगळ्या वाठारांत घडटात. केन्ना दिल्लींत तर केन्ना काश्मिरांत तर केन्नाय मुंबय सारक्या वाठारांत तांच्यो कथा दिसतात. आनी त्या त्या वाठारा प्रमाणें भास, भेस आनी वातावरण कथेंत दिसता. देखीक ‘काश्मिरांतली कळी’, ‘चीनी पीक’, ‘चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत’ आनी ‘मुग्धा’ सारक्यो कथा. ‘काश्मिरांतली कळी’ ही कथा काश्मिरचें दर्शन घडयता. जाल्यार ‘चीनी पीक’ ही कथा चीनी पीक ह्या वाठारांत घडटा तर ‘चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत’ ही कथा चम्पावतींत घडटा आनी महाबळेश्वराचें वातावरण ‘मुग्धा’ हे कथेंत दिसता.[18]

कथाकार चंद्राकांत केणींच्या कांय मोजक्याच कथांचो आडवाद केलो जाल्यार तातूंत गोंयचो वाठार दिसता. कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कांय कथांनी गोंयचें पडबिंब दिसता. तातूंत कांय कथांच्यो देखी- म्हाळू पै, पयलो सेरमांव, राती वेळार, कांकणकारालो चेडो, दिवली,[19] फातरी पोंदची आंकरी, रुक्मीण, पिकिल्लीं पानां,[20] आमचे मदली ‘ती’, मांडवी अशीच व्हांवता, याद आसा, पोस्ट मॉर्टेम[21] ह्या कथांनी गोंय पडबिंबीत जाता. पूण त्यो कांय प्रमाणांत मर्यादीत स्वरुपांत येतात. केन्ना केन्ना गोंया संबंदी एकाद्रो ल्हानसो उल्लेख मेळटा.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या लघुकथा साहित्यांत जो गोंयचो वाठार येता तो सारकोच मर्यादीत स्वरुपांत येता तर तांच्या कथांनी जो समाज येता तो म्हळ्यार मध्यमवर्गी समाज. देखून तांच्या कथांनी मध्यमवर्गी समाजांतलें प्रादेशीक स्वरुपांत दर्शन घडटा. तशेंच तांच्यो लघुकथांनी कांय मर्यादीत गोंयचो सांस्कृतीक वाठार आनी संस्कृताय दिसता.

तांच्यो कांय कथा व्यक्तींचेर केंद्रीत आसतात तरी त्यो व्यक्तींच्या माध्यमांतल्यान प्रतिनिधिकपणान मुखार व्हरता अशें दिश्टी पडटा. पूण ती व्यक्ती गोंयचीच वा गोंयच्या वाठाराचें वा समाजाचें प्रतिनिधित्व करता अशें म्हणपाक जावचें ना. तांच्यो चडश्यो लघुकथा ह्यो सार स्वरुपांत येतात देखून तांच्या कथांनी चड वर्णनात्मकताय ना. जाका लागून तांच्या कथांनी येवपी खंयचोय वाठार हो मोजक्याच स्वरुपांत येता आनी तांतूंत तो आपलें अशें खाशेलें वातावरण निर्माण करता.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी पडबिंबीत जावपी गोंया विशीं विचार करता आसतना कमलाकार द. म्हाळशी हांचीं उतरां याद जातात. ते म्हणटात, ('धर्तरी अजून जियेताली' ह्या कथा संग्रहाच्या संदर्भांत) "'धर्तरी अजून जियेताली' कथा संग्रहांतल्यान खंयच्याच विशयाक हीण लेखिनासतना, उणाक मानिनासतना कथा-तंत्राचे बाबतींतली पुराय समज आनी जाणविकाय घेवन, गोंयचे अस्मितायेचें खाशेलेपण राखून चंद्रकांतबाबान ह्यो कथा बरयल्यो."[22]

गोंय हो प्रदेश वा वाठार हे नदरेंतल्यान विचार करून तो चंद्रकांत केणींच्या कथांनी सोदपाचो यत्न केलो जाल्यार गोंय हो वाठार कांय मोजक्याच कथांनी दिसता. तातूंत येवपी वाठार, मनीस, वातावरण, घडणूक, प्रसंग हें सगळें गोंयचें अशें दिसता. तशेंच कांय मोजक्याच पात्रांच्या तोंडांतल्यान येवपी भास ही ह्या गोंयच्याच प्रांताची ही गवाय दिता.

भौशीक नदरेन चंद्रकांत केणींच्या कथांचो विचार केलो जाल्यार तांच्या कांय कथांनी गोंयचो भौगोलीक वाठार पडिबिंबीत जाताच. ताचे वांगडा गोंयचो राजकी, सामाजीक, अर्थीक आनी प्रांतीय वाठार दिसता. ह्या संदर्भांत देख घेवची जाल्यार 'म्हाळू पै' ही कथा. कथेचो काळ जो कथाकार दिता तो 1956, म्हळ्यार गोंय मुक्ती पयलींचो काळ. तेन्ना गोंयांत पुर्तुगेझ राजवट आसली आनी त्या काळांत गोंयकारांची राजकी, अर्थीक, सामाजीक परिस्थिती कशी आसली हाचेर उजवाड घालता. आनी कथेंत त्या काळाचें वातावरण येता.

भौगोलीक नदरेन विचार केलो जाल्यार ‘म्हाळू पै’ हे कथेंत चंद्रकांत केणी गोंयच्या भौगोलीक वाठाराची वळख अशी दितात- “म्हाळू पै हो सांवड्डेंचो, भुसारी पसरकार. ताजो पसरो आनी घर हाजे भायर तो खंय वचनाशिल्लो, ना म्हळ्यार पंद्रशेंतल्यान एक दीस मडगांवां वचून तो पसऱ्यावेलो माल हाडटालो.”[23]

तर ‘पयलो सेरमांव’ हे कथेंत जो वाठार येता तो कांसावलेचो म्हूण सहजपणान दिसता. कांसावले हो दर्यावेळे वयलो गांव ज्या गांवांत कथाकार चंद्रकांत केणींचें भुरगेपण सारलां. देखून त्या वाठारांतलीं दर्या ल्हारां आनी माडां वांगडा त्या वाठारांतली भास लेगीत दिता. हे कथेंत गोंय दिसता तें कामील आनी सिल्वाच्या संवादांतल्यान, “पूण आपलें नीज विसरूं नाका, हें गोंय, हे माड, हांगासल्ल्या दर्याचीं ल्हारां, रात दीस पोय जागतात तसो तूं आपल्या देसाचे आनी भाशेचे आनी भावांचे राखणे खातीर जागरूक राव.”[24] गोंयच्या ह्या गांवच्या वाठाराचें वर्णन हातूंत मेळटा.

‘रुक्मीण’ हे कथेंत जो भौगोलीक वाठार येता तो गोंयचे शिमे वयलो म्हळ्यार ‘कांसपाल’ आनी ‘बांदें’ हे वाठार. पूण नायक पणजेच्या प्रासार रुक्मिणी सारके बायलेक दोन भुरग्यांक घेवन बसींत चडटा आसतना पळयता, आनी हे कथेंतलें विश्व कथाकार उबें करता.[25]

तर ‘बंदिनी’ ही कथा पणजे सारक्या वाठारांत घडटा पूण तातूंत वाठारांतलो ‘वागेरी’ ह्या थळाचो उल्लेख मेळटा.[26] तर ‘रीना जोझेफ’ हे कथेंत गोंयच्या वाठाराचो एक ल्हानसो उल्लेख मेळटा तो असो, “घडये पणजे कंपालार आपूण जल्म घेतलो अशें म्हाका दिसत म्हणून तिणें फोडणिशी केल्ली आसुंये.”[27] तर ‘लूसीं’त कथाकार लूसीच्या गांवची आनी नायकाच्या गांवची वळख दिता आसतना अशें सांगता, “आमचे गांव वेगळे. लुसी चांदरा रावतालें आनी हांव कुडचड्यार....”.[28]

‘पोस्ट मॉर्टम’ हातूंत मिनाक्षी दुसरे फावटीं नायकाक मेळ्ळे, हे कथेंत कथाकार जो वाठार दिता तो असो, “म्हयन्या भरात कुठ्ठाळे पुला कडल्या बस स्टॉपाचेर नायिका दिसता... उपरांत फुडें मडगांवच्या गार्डनांत येता.”[29]

'याद आसा' ही कथा पुराय पणजे वाठारांत घडटा. नायक नायिकेक पणजी त्या दिसा पळेता 'ती'- "त्या दिसा हांवें तुका पणजे सचिवालया फाटल्यान मार्ग क्रॉस करपा खातीर उबी राविल्ली पळयल्ली". फुडें..... "पाट्यावेल्या सांकोळ्या पुला कडेन पर्थून रस्तो क्रॉस करपा खातीर तुका उबें रावचें पडलें. तितले म्हणसर हांव सामको तुज्यासरी पावलों." फुडें कथेंत येता.... "अचकीत तुवें म्हाका विचाल्लें, तूं खंय वता?" "वास्को. आनी तूं मडगांव मूं? हांवें विचारलें.... कुळ्यां गाडी पावली तेन्ना तुवें दोन च्या मागल्यो...." पणजे सचिवालया, फाटलो मार्ग, पाट्या वयलो सांकोळ्या (पणजी) पूल, मडगांव आनी वास्को आनी कुळ्यां हो सगळो गोंयांतलो वाठार तांचे हे कथेंत दिसता.[30]

'गुलाब' हे कथेंत गोंयचो वाठार येता- "गोंयची राणी" हो ट्रक धांवता तेन्ना वाठार दिसता, तो असो- "'गोंयची राणी' खांडेपारच्या पुला कडेन पावली तेन्ना वसंतान वयलो दिवो पेटोवन........ खांडेपारच्या बाजारा कडेन येवन तो थांबलो..... फाल्यां दनपरां फोंड्यां वयल्या बाजारांत येवन राव तूं ! ..... फोंड्यां पावतकच रान सोंपिल्ल्याची जाणविकाय जाली. दुर्भाटा तिस्कार.. पावना फुडें ताचें मन मातशें खंती जालें." हातूंत वाठार दिसता तो गोंयच्या फोंड्यां म्हालांतल्या खांडेपारचो, दुर्भाटचो. [31]

दर एका वाठाराची आपली अशी एक वेगळी लोकसंस्कृती आसता. लोकसंस्कृती विशीं उलयता आसतना डॉ. जयंती नायक संस्कृतीचो अर्थ असो दितात, "'संस्कृती' म्हळ्यार समाजाची जगपाची एक विशिश्ट अशी पद्दत.... विधी-संस्कार, सण-परबो, व्रतां-उत्सव, गितां-काणयो, जेवण-खाण, भेस-अळंकार, जात्रा-उत्सव, देव-देवता, बी संस्कृतीचीं वाहनां, तांचे वरवींच आमकां संस्कृतीचो दिश्टावो घडटा."[32] देखून ती लोक संस्कृती जाता.

चंद्रकांत केणींनी सगळें भुरगेपण हें कासांवले ह्या गांवांत सारलां. कांसावलेचें रेमेत सायबिणीचें फेस्त म्हळ्यार फामात अशें फेस्त आसा. तांचे एके कथेंत हें रेमेंत सायबिणीचें फेस्त येता. 'दिवली' हे कथेंत कथाकार सांगता, "शारांतल्यान वीज परत परत वयता देखून जायते दीस सांतान एकसारको मेणवाती हाडीत राविल्लो, पूण निमाणें तो वाजेलो आनी रेमेतीचें फेस्त पळोवन येता आसतना ताणें ही दिवली हाडली."[33]

जेन्ना पुर्तुगेझ सोल्दाद म्हाळू पै हाका सकाळीं फुडें हडकिता तेन्ना तो अपशकून मानता आनी ह्या अपशकुनाचें निवारण कर म्हूण मागून घेवंक ताणें दोळे धांपून हात जोडले आनी मनांतल्या मनांत तो म्हणूंक लागलो, 'कुंकळकान्नी, पाव गे सायबिणी."[34] कुंकळेच्या शांतादुर्गेक गोंयकार कुंकळकान्न अशें म्हणून पाचारतात.

गोंयचे लोकसंस्कृतीचें एक आंग म्हळ्यार देव आनी देंवचार. ह्या देवचाराचो उल्लेख आमकां 'गीता' हे कथेंत मेळटा. 'गीता' हे कथेंत गीता एकाद्रो देवचार पळोवपाचो हट्ट करता तेन्ना नायिका तिका एक वडाच्या मुळांत घेवन थंय देंवचार दाखयता. तो असो, "एक वेळ तुवें म्हाका भेश्टायिल्लें याद आसा तुका?.... हांव देंवचाराक पळोवपाचो हट्ट घेवन बशिल्लें. बाबान धेंगसायलें, आईन समजायलें. पूण हांवें हट्ट सोडलो ना. तेन्ना तुवें म्हळें, "चल. हांव दाखयतां तुका देंवचार !" अशें म्हणून तूं मागीलदाराच्या वडामुळांत म्हाका घेवन गेलो आनी म्हाका थंयच सोडून तूं नाच्च जालो. मागीर आंगावेलें खोमीस माथ्या तोंडा वेल्यान उरफाटें काडून तूं घोगाऱ्या आवाजान म्हाका भेश्टावंक लागलो."[35]

गोंयांत हेर वाठारां प्रमाण जाती पद्दत आसा. तातूंत गोंयचो बामण हो एक मुखार असो. बामणाल्या घराक 'व्हडलें घर' म्हणपाची आदीं एक चाल आसली. हें 'कांकणकारालो चेडो' हे कथेंत कांकणकारालो चेडो सांगता. तशेंच तो ह्या व्हडल्या घराचें वर्णन करता तें अशें, "व्हडलें घर म्हणून कितें? एक राजांगण आनी चार कुडी ह्या घरा परस आनीक व्हडलीं घरां गांवांत जायतीं जालीं पूण व्हडल्या घराचें नांव बदल्लें ना."[36]

म्हणी ह्यो लोकसंस्कृतींतल्यो गोंयच्यो खूब पोरण्यो अशें आमी मानतात. ह्या संबंदान म्हणींचेर आदारीत दोन कथा मेळटात तातूंत, पयली 'किस्सा मुर्गी का' ही कथा भांगराचें तांती दिवपी कोंबी तर 'म्हाळू पै' ह्या संबंदान एक म्हण मेळटा.[37] तर शणै गोंयबाबाचे बरपावळींतलें 'कामणें'[38] हें नांव चंद्रकांत केणींचे 'उश्णें' हे कथेंत मेळटा. कथाकार 'कामणें' हें नांव तेराव्या शेकड्यांतलें नांव असो उल्लेख करता.

दर एका वाठाराचीं विशिश्ट अशीं भांगरां-शिंगरां आसतात. तशेंच गोंयच्या वाठारांत कांय भांगराच्यो वस्ती म्हणल्यार खूब पोरण्यो अश्यो, तातूंत 'कांकणां-पाटली', ही गोंयची

निजाची भांगरा वस्त. ती 'मांडवी अशीच व्हांवता' हे कथेंत दिश्टी पडटा. ती अशी, कथेंत नायक नायिकेक सांगता की फाल्यां आपले इश्ट घरा कडेन येतले तेन्ना हातांत 'कांकणां-पाटली' घाल.[39]

गोंय वाठारांत काजी आनी माड चड आशिल्ल्या कारणान हांगा सोरो चड प्रमाणांत मेळटा. पूण सोरो पिवप वा सोरो हाडप अशें सोऱ्याक म्हणिनात तर ताचे बदला कोप मारप वा कोप हाडप वा कोप दिवप अशें म्हणटात. ह्या संबंदान दिवली हे कथेची देख घेवप म्हत्वाची थारता. ती अशी- नायक सांतानाक खुशाल भरीत करपा खातीर सांगता "सांतान वच, आज बरें कॉप मारून यो, म्हाका लेगीत घेवंक जाय, तुजे बाराबर."[40]

दर एका वाठाराची आपली खाशेली जिणेपद्दत आसता. तातूंत गोंयांत पणसाच्या भिकणांक माती मारून दवरपाची चाल आसा. ती 'चेंबू' हे कथेंत दिसता.[41] तर 'पिकिल्लीं पानां' हे कथेंत नुस्त्याच्या जेवणाचो उल्लेख येता आसतना, नुस्तें मात सामकें पोंवशेल्लें. हे वांगडा बार्देसची बायलां कशीं आनी साश्टीचे दादले कशें हे विशीं वर्णन हे कथेंत जाता.[42]

दर एका वाठाराचीं आपले परीन कांय खाशेलपणां आसतात. तातूंत गोंयच्यो फोंड्यां बोरये वाठारांतल्यो 'जायो' खूब फामाद. ह्यो जायो 'आमचे मदली ती' हे कथेंत येतात. त्यो अश्यो (नायक सांगता)- "ऑफिसांत काम करतां....सांजचो घरा परतता.... बोरयेच्या पुलाचेर बसींतल्यान देंवतकच "जायो... जायो... करून फुलां विकपी भुरगे जमतात तेन्ना.... हांव रेवती खातीर जायांपोड......." फुडें हेच कथेंत गोंयचीं मापां मेळटात तातूंत पड, आटवो, अण्णाटी, गिण्णाटी अशीं आसात.[43]

गोंयच्या विंगड-विंगड लोकां मदीं एक म्हणल्यार 'कुळंबी', 'कुळंबी' हो जनसमुहांतलो सगळ्यांत पोरणो असो जनसमुह अशें मानतात. हो 'कुळंबी' समाज चंद्रकांत केणींच्या कथांनी दिसता. देखीक 'म्हाळू पै' हे कथेंत तो असो दिसता- "शेनवाराक सांजवेळची ताच्या पसऱ्या भोंवतणी गिरायकाची गर्दी जमताच. भोव करून ते गर्देंत कुळंबी लोक आसतात. शेनवाराक सप्तकाचो पगार हातांत येतकच आठ दिसांचो पुरुमेंत एकदम

करपाची कुळंबी लोकांची चाल. आनी म्हाळू पै मापार-पाप करिना हेच खातीर तो लोक तांगेर येतालो. पूण आयज जमिल्ली ही गर्दी कुळंब्यांची नासली."[44]

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या मोजक्याच कथांनी गोंयचें सैम दिसता. तातूंत चड दिसता ती 'कोलव्याची दर्यावेळ', 'पिकिल्लीं पानां' हातूंत ते कोलव्या वेळे विशीं सांगता आसतना अशें म्हणटात, "कोलव्यां वेळेर बरें वारें जीव सुखावता. दर्यार अंदू हांव णव न्हाणां करतलों."[45] तर 'पोस्ट मॉर्टेम' हे कथेंत नायक शंकर, नायिका मिनाक्षीक विचारता, "फाल्यां कोलव्यां".[46]

तर 'अनोळखी' कथेंत सुधा शंकराक मेळून कोलव्यां वता. ते कोलव्यांचें वर्णन करता आसतना अशें विचार करतात, "पूण इतल्या वर्सा उपरांत घरां फाटल्यान आशिल्लो वड वळखूंक सुधाक वेळ लागलो ना. सुधा वचून वडाचे सांवळेंत बसलें......विजेच्या दिव्यांनी कोलवेंचो वाठार चकचकतालो. हॉटेलां आनी फेरिवालेय आसले.....पूण ह्या वडामुळांत आदलोच एकांत आसा."[47]

गोंयच्या वाठारांतले थोडे प्रश्न कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी दिसतात. पूण ते चड विस्तारपुर्वक येवंक नात. तातूंत मुखेल अशें प्रश्न म्हळ्यार पुर्तुगेज राजवाटीक लागून गोंयच्या लोकांचे हाल आनी अपेश्टां वांगडाच ताचे कायद्याक लागून शिक्षण पद्दत कशी जाली, सेन्सरशीप कायदो हे सारके प्रश्न दिसतात. 'म्हाळू पै' आनी 'रुक्मणी' ह्यो कथा देख घेवपा सारक्यो. तर गोंयचे मुक्ती उपरांत स्वतंत्र सैनिकांचे जिणेंत जे प्रश्न आयले तांचे चित्र 'फातरीं पोंदची आंकरी' हे कथेंत दिसता. तर दुसरे वटेन गोंयच्या वाठारांत मिनाच्या धंद्याक लागून गोंयचे सामाजीक जिणेंत उबे जाल्ले वेगळे वेगळे प्रश्न विंगड विंगड कथांनी उबे केल्यात. देखीक-'दिवली'

"मंदीत सांतान मिनाचें खणीचेर मुकादम राविल्लो, पूण ती हवा ताका बऱ्याक पडना जाली. भोंवन-भोंवन बरो ना जावचो देखून ताका ती सिर्विसूय सोडची पडली."[48]

**'रातीच्या धा वरांचेर'**

"मिनाचो धुल्ल पोटांत गेल्यार तुका टी. बी. जावं येता."[49]

**‘अबूद मोग’**

भिकाऱ्यालें शेंवतू ना, तें खंय गुरवार जालां. ताजें लग्न जावंक ना. पूण तें खणीवेल्या ट्रकाच्या ड्रायव्हरा सरेन गेल्लें.”[50]

अशे तरेन गोंयच्या विंगड विंगड वाठारांनी मिनाच्या धंद्याक लागून गोंयच्या समाजांत कसले-कसले प्रश्न उबे जाल्यात तें स्पश्ट केलां.

त्या त्या वाठाराची एक विशिश्ट भास आसता ती ती व्यक्ती उलयता. कथाकार चंद्रकांत केणींची कथांची भास ही सादी आनी तातूंत येवपी संवादूय सादे आसतात. तशें पळोवपाक गेल्यार कथाकार चंद्रकांत केणींनी भाशेचे नदरेन कांय व्हड प्रयोग केल्ले दिसनात. देखून ‘म्हाळू पै’ हे कथेंत जेन्ना म्हाळू पै हाचो संवाद खापऱ्या कडेन येता तेन्ना म्हाळू पै पुर्तुगेझ भाशेंतल्यान संवाद सादता. देखीक-

म्हाळू पै हाका काळ्या किट्ट, नाक चेपट्ट्या खापऱ्या कडेन असो संवाद सादता, “Eh ! Voce quem ? Qui faz aqui ?” म्हाळू पै, “Eu comerciante, esta minha casa, esta urinar” खांपरी “va, va !”[51]

तर ‘कांकणकारालो चेडो’ हे कथेंत बामणाच्या घरांतले भाशेचें स्वरूप दिता. “मात्शी मान्न्यांत गेल्ली मात्! सगळो कुडकोच घेवन गेलो न्हय हो बुकलो! उंवाळून घाल्लो कित्याक येता देव जाणा !” मावशी बाय बडबडटाली.

‘आनीक कित्याक येतालो’ हारशांतली नदर भायर काडिनासतनाच वामनबाब उलोवंक लागलो, ‘मावशीबाय नुस्तें उजरायतली आनी आपूण एक नग उबारतलों म्हणून!... वानाचो रगडो उखलतासर मागीलदारचो बुकलो फुडल्या दारांत पावलो.”[52]

‘अबुद्ध मोग’ हातूंत सांतान रेंदेराचो संवाद, “बरो मोग कोत्ताय मुरे तुमी ! ताणें साद घालो.”[53] ही किरिस्तांव समाजांतल्या मनशांच्या तोंडांतल्यान आयिल्ली कोंकणी भास.

ह्या सगळ्या तरांनी विचार केलो जाल्यार चंद्रकांत केणींचे कथेंत गोंयचो वाठार कांय प्रमाणांत दिसता अशें म्हणपाक जाता. तांच्यो कथा कशो हाजे विशीं एक नियाळ करून डॉ. प्रोफेसर ओलिविन्यू गोमीश म्हणटात, “ह्या कथांनी प्रादेशीक तशी विश्वात्मकताय

घेवन, बरोवपी म्हत्वाच्या मुल्यांचेर विश्लेशण करता, सदांच नितीचे नदरेन थपथपिल्लें वातावरण घडोवन हाडटा.”[54]

**निश्कर्शः**

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्याचो विचार करून तातूंत गोंय सोदपाचो यत्न केलो जाल्यार तातूंत पयले सुवातेचेर हें मतींत दवरपाक जाय की चंद्रकांत केणींच्या कथांक संवसारीक तत्वां आसात, तशेंच विंगड विंगड वाठारांत घडटात. जाका लागून तांच्या भोव थोड्या कथांनी कांय कडेन गोंय मोजक्याच स्वरुपांत दिसता. तशेंच ही गजाल मतींत घेवपाक जाय, कोंकणींतले हेर बरोवपी जे तरेन कोंकणी कथा बरयतात तश्यो चंद्रकांत केणींच्यो कथा नात.

***

## <u>संदर्भ</u>.

1. ..... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान क्र.11 लेख: भोवप्रशवी साहित्यकार: मावजो, दामोदर.
2. डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोश: खंड पयलो. गोंय विश्वविद्यालय ताळगांव- गोंय; 1991. पान क्र. 480.
3. घाणेकार, दामोदर. (संपादक). कोंकणी इंग्लीश डिक्शनरी. राजहंस वितरण, पणजे-गोंय- 2003. पान क्र. 579
4. केळेकार, गुरूनाथ. (संपादक). इंग्लीश कोंकणी शब्दकोश. Focus Press Private Limited, Goa; 1997. पान क्र.
5. घाणेकार, दामोदर के. कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2009. पानक्र. 1861.
6. वर्मा, रामचंद्र. (संपादक). लोक भारती प्रमाणीक हिंदी कोश. लोकभारती प्रकाशान, इलाहबाद; 1992. पान क्र. 542.
7. Pathak, N. P. Dictionary of literary terms. Murari Lal and Sons New-Delhi; 2004 पान क्र. 232
8. प्रा. सरदेसाय, लक्ष्मणराव. कथा शिल्प. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1997. पान क्र. 87.
9. डॉ. डिसौझा चंद्रलेखा. कोंकणी काव्याची पृश्ठभूमी. चिंतन प्रकाशन, वास्को-गोंय; 1994. पान क्र. 107.
10. पाटील, मृणालिनी., लांजेवार, ज्योती., धनकर, मदन. (संपादक). समकालीन साहित्य-प्रवृत्ती आणि प्रवाह. विजय प्रकाशन नागपूर, महाराष्ट्र; 1985. पान क्र. 248.
11. प्रा. डॉ. कानोळकर, बाळकृष्णजी. प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाई यांची कथा: एक शोध. गोमंतक मराठी अकादेमी, पणजी-गोंय; 2005. पान क्र. 162.
12. .... कोंकणी. वर्सुकी अंक 2005. पान क्र. 20. लेख: गोंयांतल्या कोंकणी साहित्यांतलीं खाशेलपणां आनी प्रादेशीक लक्षणां: एन्. शिवदास.
13. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996. पानक्र. 39.
14. डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. आस्वादन. गोंयकार प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1987. पान क्र. 82-116.: कोंकणी, चवथ अंक 2009. पानक्र 23 आनी 20.

15. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलाकर (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान क्र. 224-230.
16. जाग. दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान .क्र.11. लेख: भोवप्रसवी साहित्यकार: मावजो, दामोदर.
17. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). कोंकणी कथासंग्रह. साहित्य अकादेमी, दिल्ली; 1989. पान क्र. प्रस्तावना.
18. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 54, 60, 86.
19. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ गोंय; 1964. पान क्र. 18, 52, 10, 57, 62.
20. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पानक्र. 15. 44, 101.
21. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985 पान क्र. 40, 16, 74, 109.
22. ... जाग, ऑगस्ट 1990. पान क्र. 25. लेख: 'धर्तरी अजून जियेताली' चंद्रकांतबाब केणी हांच्यो कथा: म्हाळशी, कमलाकर द.
23. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र.10
24. तत्रैव; पानक्र.19.
25. केणी, चंद्रकांत अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 47 - 53.
26. तत्रैव; पान क्र. 78 -85.
27. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान क्र. 48.
28. तत्रैव; पान क्र. 67.
29. तत्रैव; पान क्र.16 - 24.
30. तत्रैव; पान क्र. 40 -46.
31. तत्रैव; पान क्र. 101 - 102.
32. नायक, जयंती. लोकबिंब. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1998. पान क्र. 25.
33. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र. 62
34. तत्रैव; पान .क्र. 10.

35. तत्रैव; पान क्र. 26.

36. तत्रैव; पान क्र. 57 - 61.

37. देशपांडे, कमलादेवी राव. म्हणी फाटली काणी, खंड दुसरो. अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव-गोंय; 1998. पान क्र. 99 आनी 89.

38. शणै, गोंयबाब. झिलबा राणो. दुसरी खेप 1950. गोमंतक छापखान्याचो धनी, गिरगांव-मुंबय; 1950.

39. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान क्र. 109 - 119.

40. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964 पान क्र. 65.

41. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975 पान क्र. 25.

42. तत्रैव; पान क्र. 101 - 108.

43. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान क्र. 75 - 85.

44. केणी, चंद्रकांत, धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र. 12.

45. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 101.

46. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान क्र. 20.

47. तत्रैव; पान क्र. 90.

48. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र. 63.

49. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान .क्र. 38.

50. तत्रैव; पानक्र. 93.

51. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964 पान क्र.11.

52. तत्रैव; पान क्र. 57.

53. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 95.

54. प्रा. (डॉ) गोमीश, ऑलिविञ्यू. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास (एक सुपुल्लो नियाळ). कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय; दुसरी खेप 1996. पान क्र. 116.

# 3. कोंकणी कथा विश्वांत चंद्रकांत केणी

## 3.1 कोंकणी कथेचो इतिहास

## 3.2 चंद्रकांत केणी आनी वेगवेगळे समकालीन कोंकणी कथाकार

## 3.3 चंद्रकांत केणींचीं खाशेलपणां

## 3.1 कोंकणी कथेचो इतिहास

मनीस आपले जिणेंत सदांच आपले सरभोंवतणी पळयत आसता. आपणें जें अणभवलां, आयकलां, पळयलां तें दुसऱ्यांक सांगत आयला. अशे तरेन आपल्या मनांतले उमाळे उकतावपा खातीर ताणें केन्ना उतरांचो जाल्यार केन्ना चित्रांचो आदार घेतला. मळबांतल्या नखेत्रां विशीं, सैमांतल्या झाडां-पेडां विशीं जे अणभव घेतल्यात ते दुसऱ्यांक सांगूंक लागलो तेन्नाच लोककथेचो जल्म जालो आनी हेच लोककथेंतल्यान कथा जल्माक आयली.

म. ना. अदवंत हे संबंदान अशें म्हणटात, "खंयचेय भाशेच्या सुरवातीच्या काळांत भास ही कथात्मक वाङ्मयांतल्यान चड फुलून आयिल्ली आसा".[1]

कोंकणी कथेची सुरवात लोककथेंतल्यान जाली अशी नोंद कोंकणी विश्वकोशांत मेळटा. तातूंत अशें म्हणलां, कथा हो आर्विल्लो साहित्य प्रकार आसलो तरी काणी हें तिचें पुर्विल्लें रूप. कथा साहित्यांचें मूळ लोककाणयेंत आसा. ती पिळग्यान पिळग्यो चलत आयिल्ले कारणान तिचो काळ थारावपाक त्रास जाता.[2]

सोळाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेझ गोंयांत येवचे पयलीं कोंकणींत साहित्य आसलें हे विशीं उलयता आसतना आनी कोंकणींत कथा बरोवपाची चाल आसली अशें मत दिता आसतना, डॉ. मनोहरराय सरदेसाय म्हणटात, "सोळाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेझ गोंयांत येवचे आदीं कोंकणींत साहित्य आशिल्लें. पंदराव्या-सोळाव्या शेंकड्यांतलो कवी कृष्णदास शामा हाका कोंकणींतलो पयलो बरोवपी म्हणूं येता. ताणें 'श्री कृष्ण चरित्र कथा' ह्या मराठी काव्या वांगडाच 'अश्वमध', 'रघुनाथ वंशाची कथा' ह्यो कोंकणी भाशेंत कथा बरयल्यो आनी कोंकणीक मोलादीक अशें गद्य साहित्य दिलें."[3]

पुर्तुगाल देशांतल्या ब्रागा शारांतल्या वाचनघरांत मेळिल्ल्या आदिपर्वांत कांय कथा आसात अशें जाणकारांचें मत आसा. तातूंत डॉ. बाळकृष्णजी कानोळकार ह्या मताचे

आसात. ते ह्या कथां संबंदान अशें म्हणटात, “कोंकणी कथा साहित्यांतली पयली लिखीत कथा  असो जिचो उल्लेख करूं येता अशी कथा आमकां कोंकणी रामायण आनी महाभारत ग्रंथांच्या हातबरपांत पळोवंक मेळटा.”[4]

पूण पुर्तुगेझ गोंयांत येवचे पयलीं सोळाव्या शेंकड्या आदीं कोंकणींत साहित्य आसलें काय ना हे विशीं विचार करता आसतना डॉ. माधवी सरदेसाय हांचें मत हांगा घेवप म्हत्वाचें थारता. ती हे संबंदान म्हणटा, “पुर्तुगेझ गोंयांत येवचे पयलीं सोळाव्या शेंकड्या आदीं कोंकणींत बरयिल्लें साहित्य आशिल्लें काय ना हे विशीं जाणकारां भितर वाद आसात.”[5]

कथा हें लोककाणयां सावन आयिल्लें निवळ रूप. हे विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी सांगतात, “एका काळार कथा म्हळ्यार काणयो आसल्यो. ‘एक आसलो राजा’ असल्या वाक्यान सुरू जावन काणी तेंगशे मेरेन चडटाली आनी तेंगशेर पावना फुडें एकाद्रे न्हंयचे भाशेन दोंगराच्या कड्यावयल्यान खोल दरींत उडकी घेवन रुपेस्त घसघशाक जल्म दिताली. उदकाचें तें करूण विराट काव्य दुखेस्त आसुनूय वाचप्याक भाळयता आनी सुखेस्त आसल्यार ताज्या मनाक खातकुतल्यो करता.”[6]

1865 ते 1965 हो काळ इंग्लेज साहित्यांत लघूकथेचो भांगराळो काळ अशें मानतात.[7] लघूकथा हो एक स्वतंत्र कथा साहित्य प्रकार म्हूण अठराव्या शेंकड्याच्या शेवटाक स्थापीत जालो. तर एकुणिसाव्या शेंकड्याचे सुरवातेक ती पत्रकारितेचेर सांच्यांत येवपाक लागली आनी ती प्रसिद्ध जावपाक लागली. तेन्ना कथा साहित्याचें मुल्यांकन इंग्लेज भाशेंतल्यान जावपाक लागलें आनी जाणकारांची नदर तिचेर थिरावली.[8]

भारतीय साहित्यांत कोंकणी कथेचो विचार केलो जाल्यार कोंकणी लघूकथेच्या जल्मा विशीं सांगता आसतना पुंडलीक नारायण नायक म्हणटात, “1930च्या अदमासाक युरोपियन ‘शॉर्ट स्टोरी’ आनी भारतीय ‘काणी’ हांचो संगम जावन लघूकथेचो जल्म जालो. युरोपियन शॉर्ट स्टोरीची प्रेरणा हेर भारतीय भासांक इंग्लिशेंतल्यान लाभली, जाल्यार कोंकणी भाशेक ती इंग्लीशी बाराबर पुर्तुगेझ आनी फ्रेंच भाशेंतल्यान लाभली.”[9]

आर्विल्ल्या देवनागरी लिपयेंतल्या कोंकणी कथा साहित्याची सुरवात सगल्यांत पयलीं वामनराव वर्दे वालावलीकार ऊर्फ शणै गोंयबाबांच्या हातान जाली. 'म्हजी बा खंय गेली?' ही तांची सगल्यांत पयली कथा. ती पयली 'नवें गोंय' हातूंत उजवाडाक आयली. मागीर ती गोमन्तोपनिषत खण्ड पयलो ह्या संग्रहांत संग्रहीत जाली. तातूंत कोंकणी मनीस, कोंकणी समाज, कोंकणी वाठार, संस्कृती आनी चाली-रिती दिसून येतात. हातूंत सगल्यो पांच कथा मेळटात. त्यो म्हणल्यार, 'म्हजी बा खंय गेली?', 'वासशणैली पोपाय', 'बाबुमामालो पणस', 'पितुबाबालो तांब्यापटो' आनी 'खर्णवीर' अश्यो आसात. 'गोमन्तोपनिषत' पयलो खण्ड 1933 वर्सा उजवाडाक आयलो पूण ह्यो कथा सुमार पंदरा-सोळा वर्सां पयलीं शणै गोंयबाबांनी बरयिल्ल्यो.

आपल्या ह्या कथांक शणै गोंयबाब काणयो अशें म्हूण पाचारतात आनी तांचे विशीं उलयता आसतना म्हणटात, 'गोमन्तोपनिषत' हें ह्याच वावराचें फळ. तें जशें म्हज्या हाताक लागलें तशेंच काणयांच्या रुपान वाचप्यांच्या फुड्यांत आज हांव दवरतां. ह्यो जरी काणयो म्हळ्यो तरी त्यो कोल्या कवडुलांच्यो वा न्हवऱ्या-व्होंकलांच्या मोगाच्यो न्हय म्हणपाचें हांवें सांगचें लागना. निखटी अणभवांची वळेरी दिल्यार बरी लागची नासली देखून तांकां काणयेंत गुथचे पडले. निखटे सुके सडसडीत फोव तोंडांत उडयल्यार दाडमां वळटात. देखून ते उदकांत भिजोवन गोडाचो बांदो आनी सोय घालून मोव आनी सुरबूस करचे पट्टात तशीच गजाल ह्या उपनिषताची."[10]

शणै गोंयबाबाच्या गोमन्तोपनिषत् खण्ड पयलो हातूंत आयिल्ल्यो कथा आर्विल्ली लघूकथा म्हणल्यार 'मोडर्न शॉर्ट स्टोरी' म्हणप काय ना हे विशीं जाणकारां भितर वाद आसात.

सु. म. तडकोड शणै गोंयबाबाल्या ह्या पुस्तका संबंदान आपले विचार व्यक्त करतना तांकां कथा म्हणटात आनी सांगतात, "'म्हजी बा खंय गेली?', 'वासशणैली पोपाय', 'बाबुमामालो पणस', 'पितुबाबालो तांब्यापटो', 'खर्णवीर' अशो कथा आसात."[11]

तर डॉ. बाळकृष्णजी कानोळकार शणै गोंयबाबाच्या कथां विशीं उलयता आसतना म्हणटात, “लिखीत कोंकणी कथेचो पयलो हुस्कार हातूंतल्यान स्पश्टतायेन आयकूंक आयलो आनी अशे तरेन आर्विल्ले कोंकणी  कथेचो जल्म जालो अशें म्हणूं येता.”[12]

शांताराम वर्दे वालावलीकार ह्या पांचूय कथांक कथाच म्हणटात आनी वांगडाच तांचें वर्गीकरण करतात. तातूंत ‘म्हजी बा खंय गेली?’ ही एक कथा अशें म्हणटात तर ‘वासशणैली पोपाय’ आनी ‘बाबुमामालो पणस’ ह्यो दोनूय वनस्पतीचें दुख्ख उकतावपी रूप कथा अशें म्हणटात. जाल्यार ‘पितुबाबालो तांब्यापटो’ आनी ‘खर्णवीर’ हांकां चरित्रकथा अशें म्हणटात.[13]

डॉ. किरण बुडकुले शणै गोंयबाबाल्या ह्या कथां विशीं सांगता आसतना म्हणटात, “आधुनीक कोंकणी कथेची सुरवात ‘म्हजी बा खंय गेली?’ हे शणै गोंयबाबांचे युगप्रवर्तक कथेंतल्यान जाता. ही कथा जरी तांच्या गोमन्तोपनिषत् 1933 ह्या संग्रहांत प्रकाशीत आसली तरी ती कांय वर्सां पयलीं तांणी बरयिल्ली हाची नोंद ‘हें कितें?’ हातूंत दितात. बाल मानसीकतायेचेर आदारीत ही कथा योगायोगान आधुनीक हिंदी कथेचे प्रवर्तक मोहन राकेश हांच्या 1944 वर्सा लाहोर हांगा बरयल्ले ‘नन्ही’ हे सुरवातीच्या हस्तलिखिताच्या रुपान सांपडलेले कथेकडेन लागशिल्ली आसा. हाजे वयल्यान शणै गोंयबाब हे त्या काळार कथे खातीर कितले मुखार आसले हाची कल्पना येता.”[14]

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय लेगीत शणै गोंयबाबांच्यो कथा ह्यो आर्विल्ल्यो कथा अशें म्हणटा आसतना ते सांगतात, “*the modern story begins with shennoi Goembab, the pioneer of Konkani Renaissance*.”[15]

तर कांय जाणकार शणै गोंयबाबाले एकेच कथेक ‘म्हजी बा खंय गेली?’ हिकाच आर्विल्ली कोंकणी कथा अशें मानतात.

तातूंत कथाकार चंद्रकांत केणी ह्या मताचे आसात. ते म्हणटात, “खासा शणै गोंयबाबाची ‘म्हजी बा खंय गेली?’ ही कथा आर्विल्ल्या कोंकणी साहित्यांतली आद्य कथा म्हणूं येता.”[16]

ह्या मताचे डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार आपलें मत उकतें करतात. ते म्हणटात, “देवनागरी लिपयेंतले कोंकणी कथेची सुरवात जाली, ती शणै गोंयबाबाल्या कथा साहित्यांतल्यान. तांच्या गोमन्तोपनिषत ह्या पुस्तकांच्या दोन खण्डांनी ज्यो कथा आसात त्यो ‘म्हजी बा खंय गेली?’ हे एके कथेचो आडवाद केल्यार, आर्विल्ल्या कथांच्या तंत्रांत बसनात.”[17]

तर कांय जाणकार शणै गोंयबाबांच्या ह्या कथांक आधुनीक कथा म्हणप काय ना हाचेर दुबाव दाखयतात. तातूंत कथाकार दामोदर मावजे ह्या संबंदान म्हणटात, “कोंकणींत आधुनीक कथेचो जल्म केन्ना जालो? पयली कथा खंयची? आमी हेर भासां परस चड फाटीं नात म्हूण दाखोवपा खातीर आमी शणै गोंयबाबां कडेन बोट दाखयतात. ‘म्हजी बा खंय गेली?’ ही कोंकणींतली पयली आधुनीक कथा अशें सांगतात. ती एक उत्कृश्ठ कथा आनी त्या काळाच्या मानान खूब वयल्या पंवड्यावयली कथा हातूंत दुबाव ना. पूण मॉडर्न शॉर्ट स्टोरी म्हूण ज्या प्रकाराकडेन आमी पळयतात तातूंत ‘म्हजी बा खंय गेली?’ खंयशी बसता तें परतून तपासून पळोवंक जाय. ते कथेची मांडावळ आनी अखेर पळयल्यार तिका आयची कथा म्हणूंक येता अशें दिसना.”[18]

पुंडलीक नायक लेगीत अशेंच मत उकतें करतात, “सुमार सत्तर वर्सां आदीं शणै गोंयबाब हांणी बरयिल्ली ‘म्हजी बा खंय गेली?’ ही काणी कथेचें मुखामळ घेवन ‘नवें गोंय’ मासिकांतल्यान जल्माक आयली. पूर्ण तंत्राचे नदरेन तिका आधुनीक कथा अशें म्हणपाक जावचें ना. अशाच स्वरुपाच्यो कांय काणयो शणै गोंयबाबांनी रचल्यो आनी कोंकणींत कथेची प्रेरणा जागयली.”[19]

अशे तरेन शणै गोंयबाबाल्या कथांक आधुनीक कथा म्हणप काय ना हातूंत जाणकारां मदीं वाद आसात आनी अजून एकमत ना.

कोंकणी कथा साहित्याचो इतिहास बरयता आसतना एक मतींत दवरचें पडटा तें म्हणल्यार, गोंयांत परराज्य आसलें, पुर्तुगेझांच्या शेकातळा चिड्डिल्ले गोंयकार विंगड विंगड कारणांक लागून (मूखेल म्हणल्यार धर्मांतर आनी इंक्विझिशनाचे भिरांतीन) गोंया भायर वचून स्थायीक जाले. जाका लागून कोंकणी भास विंगड विंगड प्रदेशांनी आनी लिपयांनी शिंपडून रावली.

कोंकणी साहित्यांत कथा येवपाक कळाव लागपाक अनेक कारणां आसात तीं म्हणल्यार, ज्या वेळार कथा ही पत्रकारितेचेर फुलताली त्या वेळार कोंकणी भाशेंत कोंकणींत पत्रकारिता चड नासली, देखून कोंकणी साहित्यांत कथेक पाळां धरपाक कळाव लागलो.

1889 वर्सा जुजे ब्रुन द सौज हांच्या रोमी लिपयेंतल्या 'उदेंतेचें साळीक' ह्या पत्रकांत कथा उजवाडाक येताली. ताचे उपरांत हेर कांय रोमी नेमाळ्यांनी कांय कथा मेळटात. पूण त्यो पुस्तक रुपांत केन्नाच उजवाडाक आयल्यो नात.[20]

उपरांत 'रोटी' हें नेमाळें कराची शारांतल्यान 1914 वर्सा सुरू जालें. ताचो संपादक लुदोवीक पेरेयर (1889-1936) आसलो. तातूंतल्यान कोंकणी कथा साहित्य उजवाडाक येतालें हाची नोंद मेळटा.[21]

'कोंकणी दिर्वें' हें नेमाळें 1912 वर्सा सुरू जालें. तें सरदार कणप्पा आनी लुर्याजन हांणी सुरू केल्लें. जाका लागून कोंकणी बरोवप्यांक व्हडलें उत्तेजन फाव जालें. आनी ह्या कारणान कोंकणी साहित्य थंयच्यान घसघशीत उजवाडाक येवपाक लागलें. तातूंतले मुखेल अशे पुस्तकां रचपी कथाकार म्हणल्यार आलेन्स पायस, पाद्री जुआवं सौज, ज्यो. सा. आल्वारिस, मार्गर कुवेलो अशे आसले.[22]

ज्यो. सा. आल्वारिसान कोंकणींतल्यान 'मित्र' (1953-1975) आनी 'झेलो' (1955-1975) हीं दोन नेमाळीं उजवाडाक हाडलीं. हातूंतय कोंकणी कथेक एक वेगळी सुवात मेळ्ळी.[23]

ह्या काळांत कोंकणी कथा ही पत्रकारितेचेर शिंपडून उरिल्ली आनी हेर संग्रहीत स्वरुपांत ती मेळना.

उपरांत 1935 वर्सा कोंकणी साहित्याच्या मळार 'वोंवळां' हो प्रतिनिधीक कथासंग्रह आयलो. हो मुंबय सावन उजवाडाक आयलो जाल्यार तातूंत कारवार-मंगळूर वाठारांतलो समाज आनी मनीस दिसतालो. जयवंत कुलकर्णी हांणी तो संपादीत केल्लो. हातूंत चवदा कथाकारांच्यो कथा आसपावतात. तातूंत नंद तेलंग, अंबू कुलकर्णी, नरहरी, दिनकर देसाय, मनोरमा वागळे, जयवंत कुलकर्णी, दिगंबर नाडकर्णी, लिलाग्रज, इन्दू वागळे, श्रीपाद, शांताराम भेंडे, विश्वंभर वाघ, सुशिला स्थळेकर, श्रीपाद वागळे अशे कथाकार आसात. तातूंत आयिल्ल्यो कथा म्हणल्यार लोणच्या बुयांव, अगो गंगा, गरिबालो संवसार, बावाजीचो भंय, कुमुदाली वैनी, प्रति, फ्लोरा, जुवळ्यो भयणी, कानडी शाळे मास्तर मंदाकिनी, निराशा, वज्रां कुडकां अशो कांय आसात.

ह्या पुस्तका विशीं सांगता आसतना प्रकाशक म्हणटात, "कोंकणी 'आवयन' माळण घेतिल्लीं 'वोंवळां'. तिणें माळिल्लें फुलांफाडें कोंकणी लोकांचो प्रसाद म्हणका. दसऱ्याच्या मुर्ताचेर ह्या प्रसादाची वांटणी. 'आवय'ली शेवा करच्याक म्हण निदे दोळे पुसून, चार चोरडांनीं वेंचून हाडिल्लीं फुलां हीं."[24]

ह्या पुस्तकांत कांय कथा वा ललीत निबंदांचो आसपाव जालो. 'वोंवळां' ह्या संग्रहा संबंदान संदेश श्रीकांत बांदेकार हाजें मत हांगा घेवप म्हत्वाचें थारता. तो अशें म्हणटा, "'वोंवळां' ह्या पुस्तकांत सगळ्या प्रकारचें साहित्य आसपावता. हें पुस्तक ललीत निंबधाचें लेगीत म्हणूं येता. ह्या पुस्तकांतलीं तीन मुखेल आकर्शणां आसात. कारवारच्या

वाठारांत त्या काळार गौड सारस्वत ब्राह्मण हो समाज खूब आशिल्लो. पूण जेन्ना कारवार कर्नाटकांत पडलें तेन्ना जास्त अशीं कुटुंबां गोंयांत वा चड करून मुंबय पावलीं, दुसरें, ह्या पुस्तकांतले सगळे लेखक/लेखिका ह्या वर्गांत मोडटात. आतां हांव ज्या गडावयल्या काजूवाड्यार रावतां हांगा सुद्दां बामणालीं घरां खूब आसलीं खंय. ह्या पुस्तकाचें तिसरें आकर्शण म्हणया वा कोंकणी लोकांचें दुर्दैव म्हणुया की हें जें पुस्तक बरयिल्ले लेखक/ लेखिका आसात ते सगळे ह्या संवसाराक अंतरल्यात फकत श्रीमती अंबू कुलकर्णी ह्यो आसात."[25]

'वोंवळां' ह्या कथासंग्रहा उपरांत कोंकणी कथेच्या विकासांत खंड पडलो. 'वोंवळां' हातूंतल्या कथाकारां मदीं खंयच्याच कथाकारान मुखार कथा बरयली ना. ह्या संग्रहा उपरांत कोंकणी कथेच्या विकासांत खंड पडलो.

'वोंवळां' संग्रहा उपरांत कोंकणी कथेच्या विकासांत खंड पडलो हे विशीं सांगता आसतना उदय भेंब्रे म्हणटात, "कोंकणी कथेची बुन्याद घाली शणै गोंयबाबांनी. तांचे फाटले पिळगेन तांच्याच बरपांतल्यान स्फूर्त घेवन ते बुन्यादीचेर पारो काडपाच्या वावराक आरंभ बरो केलो. पूण तो येत्न फुडें गेलो ना. पारो उबो जालोच ना. फकत कांय चिरे 'वोंवळां' ह्या कथासंग्रहाच्या रुपान मांडिल्ले दिसतात. कोंकणी साहित्य संघान उजवाडाक हाडिल्ल्या ह्या संग्रहांत चवदा कथाकारांच्यो कथा आसात. पूण ह्या कथाकारां मदलो एकलोय कोंकणी कथेच्या मळार तिगलो ना. कोंकणी कथासाहित्याच्या मळार दुकळ पडलो हें ताचें एक कारण आसुंये. त्या उपरांतचीं पंदरां-वीस वर्सां म्हळ्यार कोंकणी सरस्पतीन काडिल्लो सुस्त न्हिदेचो काळ. ह्या काळांत कथा फुडें गेली ना. कथेचें मळ हो जालो सडो, त्या सड्यार कांय फुल्लें ना, कांय पिकलें ना."[26]

ह्या काळांत कथा साहित्याच्या विकासांत खंड पडपाचें कारण म्हणल्यार गोंयचे गोमटेक लागिल्लो परराज्याचो फांस, तशेंच अभिव्यक्तीचें मेकळेपण गोळाक लागिल्लें, तशेंच ह्या काळांत कोंकणी वादाची सुरवात जावपाक लागली.

कोंकणी कथाच न्हय तर हेर कोंकणी साहित्य कित्याक फुलपाक पावलें ना हे विशीं सांगता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “कोंकणी साहित्यांत कितें उणें आसा, हें दाखोवन दिवप सामकें सोंपें. कित्याक तर भारतांतले खंयचेय आर्विल्ले भाशेंत साहित्य निर्मितीचो वावर ज्या काळार चलतालो, त्या काळार कोंकणी भास आपल्या अस्तित्वाखातीर झुजताली. भायल्या भितरल्या दुस्मानांनी तिच्या गळ्याभोंवतणी फांस बांदिल्ले आनी तिगेलेच कांय अविचारी पूत ते आंवूळटाले. ह्या आगळ्या वेगळ्या अत्याचारांतल्यान आपलें अस्तित्व सांबाळपाखातीर कोंकणीक लांब काळ मेरेन झुजचें पडलें. देखून हेर भारतीय भासांनी त्या त्या भाशीक समाजाचे गरजे प्रमाण साहित्य निर्माण जातालें, त्या वेळार कोंकणी लेखक आपले मायभाशेच्या गळ्याभोंवतणी अंदल्ले विळखे सोडोवपाच्या वावरांत घुसपल्ले. देखून फाटल्या साडेचारशीं वर्सां मदीं हेर भारतीय भासांनी जे तरेचें जितलें साहित्य निर्माण जालें, तितलें कोंकणींत जावंक पावलें ना.”[27]

1950 ह्या काळार जायत्या नेमाळ्यांनी कोंकणी कथेक एक नवें वातावरण मेळ्ळें. तातूंत ‘साद’ (1952 संपादक - मनोहरराय सरदेसाय, श्रीपाद देसाय, फादर एच मास्करेन्हस), ‘साळीक’ (संपादक - कृष्ण करवार, शंकर भांडारी), ‘विद्या’ (संपादक - उदय भेंब्रे) सारक्या नेमाळ्यांतल्यान ती तग धरपाक लागली. ह्या काळार ‘मीर्ग’ हें रवीन्द्र केळेकार हांणी सुरू केलें. रवीन्द्र केळेकार तेन्ना कोंकणी प्रदेश आनी भास हे खातीर नेटान वावर करताले. देखून कोंकणी कथा तातूंत चड विकसीत जावपाक पावली ना. पूण तातूंत आयिल्ल्यो कथा म्हणल्यार 15 ऑगस्ट 1957 वर्सा ‘सुण्याचें सुख’ ही अणकारीत कथा जी अभिजीत हाणें उजवाडाक हाडिल्ली मेळटा तर ‘भक्तीचें पानवळ’ (अणकार) ही रवीनद्रनाथ ठाकूर हांची कथा मेळटा. हेर कांय कथा साहित्य मेळटा.[28]

1955 वर्सा चंद्रकांत केणींनी ‘भुंयचाफीं’ हो कोंकणी कथांचो प्रतिनिधीक संपादकी कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. हातूंत गुरुनाथ केळेकार हांची ‘बामणबुद्द’ आनी कायतान मेंदीश हांची ‘सोरपाली बुद्द’ अश्यो नव्या तंत्रांच्यो कथा होल्मतात. तेच वांगडा ‘ओड’ ही

पांडुरंग भांगी, ‘रेनकोट’ कृश्ण करवार आनी ‘फुलकान्न’ ही चंद्रकांत केणीली कथा मेळटा. हो संग्रह चंद्रकांत केणींनी स्वता दिल्लीक सन्निधि, राजघाट सावन उजवाडाक हाडलो.

आपल्या भुंयचाफीं विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “भुंयचाफ्यांच्या माळेंतलीं हीं पांच चाफीं. हीं भुंयचाफीं घेवन हुतहुतेपणान हांव कोंकणी सरस्पतीच्या देवळांत आयलां. हुतहुतेपणाक लागून चाफीं निवळावंक नात, तांची मातीय झडोवंक ना. ह्या चाफ्यांनी जर थोडो-अदीक परमळ आसत, जाल्यार ताचें श्रेय हे भुंयेक, कोंकणी भुंयेक. जर नासत जाल्यार ताजी जापसालदारकी आमचेर. आमी ही भूंय सारकी कसूंक ना. हीं बियां शिंपूंक नात .....”.[29]

ज्या काळार कोंकणी कथा चड प्रमाणांत फुलूंक नासली त्या वेळार चंद्रकांत केणींनी कथा बरोवपाचें आनी प्रकाशीत करपाचें धाडस केलें.[30]

‘भुंयचाफीं’ उपरांत कोंकणी कथेच्या विकासांत एक गती आयली आनी नवे नवे कथाकार कथा बरोवंक लागले. हे विशीं डॉ. बाळकृष्णजी कानोळकार म्हणटात, “चंद्रकांत केणी हांणीय असोच एक प्रयोग केलो आनी तातूंतल्यान ‘भुंयचाफीं’ फुल्लीं तें वर्स आसलें 1955. हाजे उपरांत कोंकणी कथेच्या मळार नवे उमेदीच्या तरणाट्यांचो वावर सुरू जालो. गोंयां आनी गोंया भायर नवे नवे प्रयोग जावंक लागले. नवो आशय, नवो विशय आनी रचणुकेचे नवे नवे आकृतीबंद घेवन ते आयले.”[31]

1952 वर्सा “ओल इंडिया रेडिओ” मुंबयंत सुरू जालो आनी कोंकणी साहित्याक एक नवी दिशा मेळ्ळी. तेन्ना केंद्र सरकाराच्या माहिती आनी वितरावण खात्याचे अधिकारी एक गोंयकार पु. म. लाड आसले. तांणीय थंय कोंकणी कार्यावळी सुरू केल्यो आनी कोंकणी कथेक विकास करपाचे दिशेन वाव मेळ्ळो. ह्या काळांत मुंबय सावन रेडिओचेर कोंकणी कार्यावळी सुरू केल्यो आनी कोंकणी कथेक थंय तग धरपाक सुवात मेळ्ळी.[32]

1961 वर्सा गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणी साहित्याक विकासाचे नदरेन मुक्तताय मेळ्ळी आनी कथा साहित्य मुक्ती उपरांत चड विकसीत जालें. तातूंत तंत्रांचे बाबतितूंच सुदारणा घडून आयलिना, जाल्यार कथा विश्वाचे बाबतिंतूय मुळावो बदल घडून आयलो.

गोंय स्वतंत्र्या उपरांतचें पयलें दशक म्हणजे 1970-80 हो काळ कोंकणी कथेच्या वैभवाचो काळ म्हणपाक जाता.[33]

1962 वर्सा 'कथा संगम' हो संपादीत कथा संग्रह नागेश सौद हांणी कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार उजवाडाक हाडलो.

कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार चंद्रकांत केणींनी कथा सांच्यांत बसोवन कोंकणी कथेक नवो आयाम दिलो. तातूंत कोंकणी कथेन नवें तंत्र आपणायलें. तांच्यो चडश्यो कथा मोटव्यो पूण सुटसुटीत उतरांनी बरयल्यात. कोंकणी कथेच्या मळार केल्ल्या वावराक लागून चंद्रकांत केणींक कांय जाणकार कोंकणी देवनागरी कथेचो आद्य कथाकार म्हूण पाचारतात.[34]

कथाकार चंद्रकांत केणी हांचो पयलो कथासंग्रह म्हणल्यार 'धर्तरी अजून जियेताली' (1964). उपरांत 'आशाढ पावळी' (1973), 'अळमी' (1975), 'व्हंकल पावणी' (1985), 'जंय वतां थंय' (1994), 'बहुरत्ना वसुंधरा' (2004) अशे तांचे कथासंग्रह मेळटात. तशेंच भारतीय साहित्या अंतर्गत तांणी कोंकणी कथा साहित्यांत 'कथिका' हो प्रकार हाडलो. तातूंत 'कथिका' (1993) आनी 'मेघ मल्हार' (1994) अशे तांचे कथिकासंग्रह मेळटात. कथिकां वांगडाच तांचो 'तरेतरेचीं संवगां' हो 'काणलां' साहित्य प्रकारांतलो संग्रह मेळटा.

चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथा साहित्य निर्मणे वांगडाच नवे नवे कथाकार घडोवपाचो वावर केलो. एक समर्थ कथाशिल्प म्हणून तांचें नांव कोंकणी कथासाहित्यांत मुखार येता.[35]

1979 वर्सा ‘जाग’ प्रकाश’, ‘पुनव’, ‘कोंकणी भारती’, ‘राष्ट्रमत’ - सोमार, ‘कुळागर’ सारक्या पत्रकारितेचेर कोंकणी कथा शिंपडायल्ली आसा पूण हातूंतल्यो कांय कथा संग्रहीत जाल्ल्यो आसात.

1971 वर्सा ‘प्रसादफूल’ (वेंचीक कथा) हो प्रतिनिधीक कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. हो संग्रह अ. ना. म्हांबरो हांणी संपादीत केल्लो. ह्या पुस्तकांतल्या संपादकीत पयलें वाक्य अशें आसा, “कोंकणी कथा आतां जायासान बरी वाडल्या ...”[36]

1971 वर्सा उजवाडाक आयिल्ल्या ह्या कथासंग्रहांत तेरा कथांचें संकलन जाल्लें आसा. तातूंत शीला नायक (गॅर्), सुरेश बोरकार (माधवकाका), दामोदर मावजो (मरण येना म्हूण), हरदत्त खांडेपारकार (बेब्दो बाबलो), मधुबाला किर्तनी (आंगवण), अनिल बोरकार (एक राजाराम मरता ताची काणी), श्याम वेरेंकार (कायतान), मीना गायतोंडे (आवडू), गोविंद मुद्रस (पाखलो) अश्यो आसात.

1978 वर्सा कोंकणी जनता प्रकाशन कोची हांगासून यशवंत पालेकार हांच्या संपादनाखाला ‘कोंकणी कथाष्टक’ हो संपादकी कथासंग्रह उजवाडाक आयलो. तातूंत ज्यो कथा संपादीत जावन संग्रहीत जाल्यात त्यो ‘कोंकणी जनता’ (1972) ह्या पत्रकांतल्यान उजवाडाक आयल्यो. ह्या काळांत ‘देव आनी मनीस’ हो अ. रा. नायक हांचो कथासंग्रह मेळटा.

विसाव्या शेंकड्याचें आठवें दशक कोंकणी कथेच्या इतिहासांतलो सुवर्णकाळ अशें मानतात.[37]

ताचे उपरांत दामोदर मावजो हांचो ‘गांथन’ 1972 वर्सा उजवाडायिल्लो कथासंग्रह मेळटा. उपरांत ‘जागरणां’ (1975), ‘रुमडफूल’ (1989) आनी ‘भुरगीं म्हगेलीं तीं’ (2003) अशे कथासंग्रह मेळटात. तातूंत फामाद अश्यो कांय कथा म्हणल्यार ‘मर्ण येना म्हूण’, ‘सदानंद’, ‘तेरेजालो घोव’, ‘आंगवण’, ‘रुमडफूल’, ‘मॅट्रीकेचो रिजल्ट’ अश्यो

आसात. तांच्या कथांचीं खाशेलपणां म्हणल्यार तांच्या कथांनी दिसपी साश्टी वाठारांतलें वातावरण, थंयचीं पात्रां आनी भास आसात.

लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी बरयिल्ल्यो कोंकणी कथा वेगळ्या वेगळ्या नेमाळ्यांनी शिंपडून आसात. तांच्यो कथा म्हणल्यार कथा आनी ललीत लेख हांचे मदीं थारतात. तातूंतल्या कांय कथांची देख दिवची जाल्यार 'म्हजे दोळे', 'दोळ्यांचें ओपरेसांव', 'केळ्यां घड', 'मास्तर' अश्यो आसात.

कोंकणी कवितेच्या मळार वावूरतल्या कवींनी कांय कथा वरयल्यात. तातूंत डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, हांणी बरयिल्ल्या कोंकणी कथा साहित्यांतली फामाद कथा म्हणल्यार, 'सांवळो सर्गार वेता'.

अस्तुरी साहित्यिकां मदीं शीला (नायक) कोळंबकार हांचे 'ओली सांज' (1973) आनी 'भुंयचाफीं' (1994) अशे कथासंग्रह मेळटात. तांच्यो चडश्यो कथा ह्यो मनोविश्लेशणात्मक आसात. 'मॅगी', 'बेबी', 'ओली सांज', 'खेळ', 'अशीच एक दनपार', 'पोसकें' सारक्यो कांय पामाद कथा आसात. तशेंच तांच्यो कांय कथा चित्रांगी, कुळागर, राष्ट्रमत, जाग सारक्या पत्रकांतल्यान शिंपडिल्ल्यो मेळटात.

मीना काकोडकार (गायतोंडे) हांचो 'दोंगर चंवल्ला' (1976) आनी 'सपनफुलां' (1990) हे कथासंग्रह आसात. तांच्या कथांचीं खाशेलपणां म्हणल्यार कथे प्रमाण कथेची व्यथा, वेदना हातूंत बदल घडटात. तातूंत 'दोंगर चंवल्ला', 'स्वीट ड्रीम्स', 'देवतवंशी', 'सुकण्या पिला रे', 'चंदनाचो रूख' अशो स्मरणीय कथा आसात.  1976 वर्सा 'भिंगर' हो गुरूदास बांबोळकार हांचो कथासंग्रह मेळटा.

पुंडलीक नायक हांचे कथेचीं मुळां गोंयचे भुंयेंत खोल रुजल्यांत, तांची भास तशेंच तांच्या कथांचो विशय हो गांवगिरो. नाटककार म्हूण प्रतिश्ठीत जाल्ले पुंडलीक नायक हांणी कोंकणी कथेंत 'पिशांतर' (1977), 'मुठय' (1977) आनी 'अर्दूक' (1989) अशे

कथासंग्रह कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार दिल्यात. तांच्या ह्या कथांतल्यान गोंयच्या गांवचें वर्णन आनी लोकांच्या जिविताचें जितें जिवें जाल्लें चित्र उबें रावता. 'कासय', 'पारज', 'काणी एका मांजराची', 'हार', 'बळार', 'वळख' ह्यो कांय तांच्यो गाजिल्ल्यो कथा आसात.

'निमणी इत्सा', आनी 'तुफान' हे फेलिक्स कार्दोजांचे कथासंग्रह आसात. तांणी कथा साहित्याच्या मळार जो वावर केला तो रोमी लिपयेंतल्यान केल्लो आसा. तांचे विशीं कोंकणी विश्वकोशांत नोंद मेळटा ती अशी, "रोमी लिपींतल्या साहित्याक फेलिक्स कार्दोज हांणी नवी देख दिली. पुर्तुगेझ उतरांनी भरसून आनी भस्टून गेल्ली कोंकणी, तांणी निवळ नितळ करून आनी लिपीचें शुद्धीरण करून, तिका प्रमाणरूप दिवपाक कथेच्या मळार मोलादीक वावर केला."[38]

कोंकणी कथेंत 'अ-कथा' हो कथा प्रकार अ. ना. म्हांबरो हांणी कोंकणी कथा साहित्यांत हाडलो. हे 'अ-कथा' ह्या प्रकाराचेर आदारीत तांचो 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' हो कथासंग्रह 1985 वर्सा उजवाडाक आयलो. तांचे कथेंत मनशांचे तरातरांचे नमुने मेळटात. तांचे कथेंत चड भर व्यंगात्मक, विडंबनात्मक विनोदाचेर दिल्लो आसा. 'गवेत उकतें जायना', 'भावोजी मेलो', 'विठूली चावी सांडली' हे कांय इत्कृश्ठ कथेचे नमुने आसात.

एन शिवदास गोंयचे घराबे समर्थपणान चित्रायतात. गांवांतल्या लोकांच्यो सामाजीक आनी धार्मीक चालीरिती, तांचो कुड्डो विश्वास, तांच्यो भोगावळी हांचो तांणी बारीकसाणीन अभ्यास केला. तांचे कथासंग्रह म्हणल्यार 'गळसरी' (1981) आनी 'महारूख' (1999) अशे आसात.

कवासो (1978) ह्या कथासंग्रहांत जयमाला दणायत हिणें चड करून बायलांचेच प्रश्न मांडल्यात. तिच्या खूबश्या कथांनी उमाळ्यांची ओलसाण आसली तरी कथा सरळ

एके वळींत सांगतना ती आडखळना. ‘आंकवार मोरी’, ‘कवासो’, ‘नोट चलयली’, ‘पाल’ ह्यो कांय पामाद कथा आसात.

हेमा नायक आपले विचार ‘पसय’ (1982) ह्या कथासंग्रहांत मांडटात. तिच्या कथांचो एकूच विशय म्हणल्यार बायल. हाका लागून तिच्या विशयाचो आंवाठ ल्हान जालो तरी तिच्या कथांनी एकसुत्रीपण येता. कथानका परस स्वभाव चित्रणांत ती चड रस घेता.

‘गर्जन’ (1989) आनी ‘अथांग’ हे डॉ. जयंती नायक हिचे कथाझेले. बायलांचेर जावपी सामाजीक अन्याय आनी समाजांत आशिल्लो कुड्डो विश्वास हे तिच्या कथांचे विशय. ‘माणकां मोतयां’ ह्या कथाझेल्यांत लुईश मार्तीश, बेनदि एवारिस्त मॅन्डीश, कायतान फेर्नांडीश आनी हेर कांय कथाकारांच्यो कथा उजवाडाक आयल्यात.

गजानन जोग हांणी गोंयचें वातावरण बेसबरें चित्रायलां. तांचे कथासंग्रह ‘रुद्र’ (1986) आनी ‘सोद’ (1994). ह्या कथासंग्रहांनी तें वातावरण बरे तरेन आयलां. ‘मावशे भाव’ आनी ‘महारुद्र’ अशो कांय उत्कृश्ठ कथा आसात.

सिरिल सिक्वेरान ‘दुकां’ (1978) नांवाचो कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. चा. फ्रा. डिकोस्तांचो ‘मेल्लें’ हो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो आनी लियो डिसौजा हांणी ‘लिमाचो भुरगो’ हो कथासंग्रह उजवाडाक हाडला. तशेंच सिलवेस्टर डी सौजा हांचो ‘अपरिचित’ (1981) हो कथासंग्रह उल्लेख करपा सारको आसा.[39]

गोविन्द्र मुद्रस, उदय भेंब्रो, अ. नि. बोरकार, सुरेश काकोडकार सारक्या बरोवप्यांच्यो कथा पत्रकारितेचेर आसपावल्यात. ज्यो अजून मेरेन संग्रहीत जावंक नात.

जायत्यो कोंकणी बऱ्यो कथा अजून संग्रहीत जावंक नात. ‘राखणो’, ‘मित्र’, ‘काणी’, ‘साळक’, ‘कोंकणी’, ‘जाग’, ‘कोंकण टायम्स’, ‘गोमंत भारती’, ‘कुळागर’, ‘राष्ट्रमत’, ‘सुनापरान्त’ ह्या सारक्या आनी हेर कांय कोंकणी नेमाळ्यांनी कांय कथाकारांच्यो समर्थ अशो कथा होलमतात.[40]

गुरुनाथ केळेकारांच्यो कथा 'नवें गोंय', 'परमळ', 'पुनव', 'कोंकण भारती', 'कोंकणी', 'राष्ट्रमत-सोमार' ह्या सारक्या कांय नेमाळ्यांनी दिश्टी पडटात.

1985 वर्सा चंद्रकांत केणींनी 'कोंकणी कथासंग्रह' हो संपादीत कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. तो साहित्य आकादेमी दिल्ली हांगा सावन प्रकाशीत जाल्लो. हातूंत चवदा कथाकारांच्यो कथा आसपावतात. तातूंत बाकीबाब बोरकार, हांची 'दोन बळी', पांडुरंग भांगी हांची 'भेट', मनोहरराय सरदेसाय हांची 'सावळो सर्गार वेता', व्यंकटेश अनंत पै रायकार हांची 'घुस्मटमार', चंद्रकांत केणी हांची 'हिप्पी चली' सारकी आनी हेर कांय कथाकारांच्यो कथा तातूंत आसपावतात.

1985 वर्सा प्रकाशीत जाल्ल्या ह्या कोंकणी कथासंग्रहांत प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी कोंकणी कथेच्या विकासाचो पुराय नियाळ दिला. तातूंत ते कथेच्या इतिहासा विशीं उलयता आसतना म्हणटात, "फाटल्या कांय वर्सांनी कोंकणी कथेक सुमाराभायर पीक आयलां. पाऊणशें-अंयशीं वर्सांनी मराठी साहित्याक जें सादलें ना तें कोंकणी साहित्यान थोड्याच काळांत करून दाखयलां. त्या कर्तुपांत कोंकणीची शक्त जशी दिसून येता तशीच कोंकणी मनशाची प्रतिभाय दिसून येता. हे पयलीं गोंयकार लेखकांनी खंयचेय भाशेंत इतलें कथा साहित्य बरयलेंना. आयज तें लसलसून वयर सरता."[41]

1985 वर्सा कोंकणी भाशा मंडळान 'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा' हो कथा संग्रह अ. ना. म्हांबरो हांच्या संपादना खाला संपादीत करून प्रकाशीत केलो. 1962 ते 1976 ह्या काळांतल्या कोंकणी कथांचो आसपाव हातूंत जाल्लो आसा.

1986 वर्सा केरळ कोंकणी आकादमीन 'कथा 83-84-85' नांवा खाला हो कथासंग्रह संपादीत करून हाडलो. 1988 वर्सा शशांक सिताराम हांचो 'नबत' हो कथासंग्रह उजवाडाक हाडलो. अच्युत तोटेकार हांणी 'चैत्रांगण' हो कथा संग्रह उजवाडाक हाडला. विठ्ठल आंवदयेंकारान प्रसंग (1988) हो कथा संग्रह उजवाडायलो. तर गुरूदास दामोदर कामत बांबोळकार हांचो 'भिंगर' (1976) उजवाडायलो.

ओलिव्हीन्यु गोमिश हांचो 'मन ओडटा ओडना' हो कथासंग्रह 1981 वर्सा उजवाडाक आयलो. तोमाजीन कार्दोझ हांच्या कथा साहित्यांत एकूच कथासंग्रह मेळटा तो म्हणल्यार 'झेलो' (1989). दत्ता नायक हे एक कुशळ कथाकार. तांच्यो कथा 'एक आशिल्लो सोसो' ह्या कथासंग्रहांत आसपावतात. तांचे भाशेक लागून आनी तांच्या वास्तव चित्रणाक लागून तांच्यो कथा मनांत घर करून रावतात. कथानका परस ते स्वभावलेखनाचेर चड भर दितात.

महाबळेश्वर सैल कोंकणी कथेक एक नवें रुप दितात. गोंयचे दक्षिणे कडल्या माजाळी सदाशीवगड ह्या वाठाराचें चित्र आनी त्या वाठारांतली भास तांच्या कथांनी दिसता. 'पलतडचें तारूं' (1989), 'तंरगां' (1991) सारके संग्रह मेळटात. ते सातत्यान कोंकणी कथा बरयत आसात.

1989 वर्सा अभयकुमार वेलींगकाराचो 'कंवच्यो' हो कथासंग्रह मेळटा जाल्यार शांताराम हेदो हांचो 'घरपुरूस' हो कथासंग्रह मेळटा. उपरांत 'अंतरआयामी' (1991) हो गोकुळदास प्रभू हांचो कथासंग्रह मेळटा. रजनी भेंब्रे हांचो 'घुस्मट' (1988) आनी 'आंबट-तीख' हो आयन डी कार्दोज हांचो कथासंग्रह मेळटा. ह्या काळांत 'असो हो संवसार' प्रभाकर तेंडूलकार हांचो कथासंग्रह आसा. 'चित्रांतलें वादळ' (ज्योती कुंकळकार), 'काजुले' (सुरेखा तोटेकार) आनी 'भांगरा दांत' (कें. र. वसंतमणी) हे सारके कथासंग्रह मेळटात.

'काणी जाली चली' हें अ. मेलवीन रोड्रिगीज हांचे पुस्तक 1995 वर्सा प्रकाशीत जालें. 'कथा परिक्रमा' ह्या संपादीत कथासंग्रहाची संकल्पना आनी संपादन प्रा. भुषण भावे आनी प्रकाश वजरीकार हांणी केल्लें आसा. जैत प्रकाशना वतीन प्रकाशीत जाल्ल्या ह्या संपादीत कथासंग्रहाक पयल्या वर्साच्या कोंकणी वेंचीक विद्यार्थ्यां खातीर पाठ्यपुस्तक म्हूण 1994-95 ह्या शिक्षणीक वर्सा सावन चालीक लायलो.

1996 वर्सा रमकांत पोवळेंकारांचो 'खंय आसा नातें रगताचें?' आनी देविदास कदम हांचो 'कांदळां' अशे दोन कथासंग्रह मेळटात. 1977 वर्सा मधुसूदन जोशी हांचो 'खांवटें' आनी शशांक सिताराम हांचो 'परीध' अशे कथासंग्रय मेळटात.

'समकालीन कोंकणी लघुकथा' हो संपादीत कथासंग्रह नॅशनल बुक ट्रस्ट ऑफ इंडिया हांणी 1998 वर्सा उजवाडाक हाडलो. हाजें पुंडलीक नायक हांणी संपादन केल्लें आसा. हातूंत पंचवीस कथाकारांच्या कथांचो आसपाव जाल्लो आसा.

1998 वर्साचें दीपा मुरकुंडे हांचें 'उमजणी' हें कथासंग्रहीत पुस्तक मेळटा. 1999 वर्सा 'उगडास जीण' हो कथासंग्रह उदय शेणवींनी कोंकणी साहित्याच्या मळर हाडलो. 2000 वर्सा माया खरंगटे हांणी 'घोंटेर' हो कथासंग्रह कोंकणी साहित्याच्या मळार हाडलो. ह्या काळांत 'कथावली' हो संपादीत कथासंग्रह सोमनाथ कोमरपंत हांणी उजवाडायलो. 2001 वर्सा 'काळ चक्र' हो अतुल पंडित हांचो कथासंग्रह उजवाडाक आयलो.

'अंदल्ले उस्वास' हो भालचंद्र गांवकार हांचो पयलो कथासंग्रह जाल्यार 'दोंगराचे आंवडे' हो 2003 वर्सा उजवाडाक आयिल्लो दुसरो कथासंग्रह आसा. 2002 वर्सा 'मुक्त जीण जियेतना' हो टोनी मार्टीन आनी 'अशिकथा' हो अशोक कामत हांचो कथासंग्रह मेळटा. 2003 वर्सा 'मिरांस' हो वामन टाकेकार जाल्यार 'थिका' हो नम्रता सालेलकार हांणी प्रकाशीत केल्लो कथासंग्रह आसा. 'पांच काण्यो' हो विमल कृष्ण प्रभुदेसाय हांणी प्रकाशीत केल्लो कथासंग्रह, तर 'एकठांयिल्लीं सपनां' हो उदय शेणवी हांचो कथासंग्रह आसा.

विकसीत नदरेन कोंकणी कथेच्या मळार आतां नव्या नव्या कथाकारंनी कथा साहित्य बरोवन कोंकणी कथा फुलयल्या. आयज लेगीत कांय पत्रकांनी कोंकणी कथा बरी केळयिल्ली दिसता. पूण गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणी कथा विकासाचे तेंगशेर पावली. ह्या संबंदान लक्ष्मणराव सरदेसाय म्हणटात, "फाटल्या कांय वर्सांनी कोंकणी कथेन जें सादलां तें

हाजे पयलीं  गोंयचे  खंयचेच  भाशेंतले  खंयचेच  कथेन सादूंक नाशिल्लें. ह्या कथांची आनी कथाकारांची तोखणाय करीत तितली थोडी. तांचेच हे बुन्यादीचेर कोंकणी प्रतिभेची फुडली इमारत उबी जावपाची आसा, म्हाका ती स्पश्ट दिसता.”[42]

***

## संदर्भ.


1. कुलकर्णी, अनिरूध्द. (संपादक). प्रदक्षिण खंड पहिला. कॉन्टीनेन्टल प्रकाशन; 1980. (7 खेप). पान, क्र. 101.
2. डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोश : खंड पयलो. गोंय विश्वविद्यालय ताळगांव; 1991. पान, क्र. 504.
3. .... कुळागर, दिवाळी अंक 1985. पान, क्र. 5-10. लेख : कोंकणी भास आनी साहित्य हांचो संक्षिप्त इतिहास : डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय.
4. कानोळकार, बाळकृष्णाजी. क्ष : समिक्षेंतलो. परा प्रतिमा प्रकाशन, पेडणे-गोंय; 2008. पान, क्र. 95.
5. .... जाग, जानेवारी - फेब्रुवारी 2008. पान, क्र. 2. संपादन.
6. केणी चंद्रकांत. कथा-भारती. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2006. पान, क्र. 5.
7. Sarkar Subhas. Literary Essays. The World Press Privated Limited, Calcutta; 1977. पान, क्र. 119.
8. Klarer, Mario. An introducation to Literary Studies. Routledge 11 New Fetter Lane, London. 2000(दुसरे खेप) पान, क्र. 13.
9. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.
10. शणै, गोंयबाब. गोमन्तोपनिषत्. खंड पयलो. गोमन्तक छापखानो, गिरगांव-मुंबय; (तिसरी उजवाडावणी) 1989. पान, क्र. 6.
11. तडकोड, सु. म. कोंकणी समीक्षण तत्व आनी प्रयोग. केदार प्रकाशन गृह, पणजी-गोंय; 1989. पान, क्र. 80.
12. कानोळकार, बाळकृष्णाजी. क्ष : समिक्षेंतलो. परा प्रतिमा प्रकाशन, पेडणे-गोंय; 2008. पान, क्र. 95.
13. वालावलीकार, शांताराम वर्दे. (संपादक). समग्र शणै गोंयबाब :खंड तिसरो. गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्सिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा, पणजी-गोंय; 2006. पान, क्र. प्रस्तावना.

14. बुडकुले, किरण. (संपादक). कोंकणी कथा मराठींत. साहित्य अकदेमी. दुसरी उजवाणी 2008. पान, क्र. प्रस्तावना. बुडकुले, किरण. आनी सुर्लकर, मोहनदास. (संपादक). कथादर्पण. इन्सिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा, पणजी-गोंय; 2009. पान, क्र. प्रस्तावना.
15. Dr. SarDessai, ManoharRai. A History Of Konkani literature (from 1500 to 1992). Sahitya Akademi Delhi; 2000. पान, क्र. 184.
16. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाश, मडगांव-गोंय; 1996. पान.क्र. 27.
17. नागवेंकार, हरिश्चंद्र. आस्वादन. गोंयकार प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1987. पान, क्र. 82-83.
18. .... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान, क्र. 10.
19. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.
20. डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोश : खंड पयलो. गोंय विश्वविद्यालय ताळगांव; 1991. पान, क्र. 504.
21. Das, Sisir Kumar. A History of Indian literature (1911-1956). Sahitya Akademi; 1995. पान, क्र. 502.
22. गोमिश, ओलिवीज्यु. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास. कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय; दुसरी खेप 1996. पान, क्र. 56 -57.
23. Das, Sisir Kumar. A History of Indian literature (1911-1956). Sahitya Aakademi; 1995. पान, क्र. 504.
24. कुलकर्णी, जयवंत. (संपादक). वोवळां. कोंकणी साहित्य संघ, गिरगांव; दुसरी खेप 1997. पान, क्र. प्रस्तावना.
25. .... कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक 1999. पान, क्र. 33.
26. केणी, चंद्रकांत. आशाढ पांवळी. जाग प्रकाशन, प्रियोळ- गोंय; 1973. पान, क्र. प्रस्तावना.

27. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाश, मडगांव-गोंय; 1996. पान, क्र. 53.
28. मीर्ग, (15 ऑगोस्त 1953 ते जानेवारी 1956.)
29. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). भूंय चांफीं. केणी, चंद्रकांत; पान, क्र. प्रस्तावना.
30. .... कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान, क्र. 64. लेख : निर्मळ उदकाचो झरो : केळेकार, गुरूनाथ.
31. कानोळकार, बाळकृष्णाजी. क्ष : समिक्षेंतलो. परा प्रतिमा प्रकाशन, पेडणे-गोंय; 2008. पान, क्र. 95.
32. Das, Sisir Kumar. A History of Indian literature (1911- 1956). Sahitya Akademi; 1995. पान, क्र. 821.
33. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.
34. .... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान, क्र. 10. लेख : भोवप्रसवी साहित्यकार : मावजो, दामोदर.
35. नायक, पुंडलीक ना. गा आमी राखणे. अपुरबाय प्रकाशन, वळवळ-गोंय; दुसरी खेप 1990. पान, क्र. प्रस्तावना.
36. म्हांबरो, अ. ना. (संपादक). प्रसादा फूल. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1971. पान, क्र. प्रस्तावना.
37. .... साहित्य शिल्प. गोवा कोंकणी अकादेमी. पणजी-गोंय; 1995. पान, क्र. 127.
38. डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय. (संपादक). कोंकणी विश्वकोश : खंड पयलो. गोंय विश्वविद्यालय ताळगांव; 1991. पान, क्र. 504.
39. गोमिश, ओलिवीज्यु. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास. कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय; दुसरें खेप 1996. पान, क्र. 118.
40. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.

41. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). कोंकणी कथा संग्रह. साहित्य अकदेमी, दिल्ली; दुसरी खेप 1989. पान, क्र. प्रस्तावना.

42. तत्रैव.

* Kelekar, Ravindra. Bibliography of Konkani Literature. Gomat Bharati, Priol - Goa. 1963.

## 3.2 कथाकार चंद्रकांत केणी आनी वेगवेगळे समकालीन कथाकार

विसाव्या शेंकड्याच्या मध्या उपरांत म्हणल्यार 1950च्या उपरांत स दसकां सातत्यान बरोवपाचें कार्य करपी कथाकार चंद्रकांत केणींनी एक वेगळी अशी नामना जोडल्या. पूण तांच्या समकालीन कथांच्या संदर्भांत जेन्ना तांच्या कथांचें मुल्यांकन करप शक्य आसलें जाल्यार लेगीत हाचो अर्थ असो न्हय की वेगवेगळ्या कथाकारंचो तुलनात्मक अभ्यास हांगा जायना. खंयचोय रचनाकार आपल्या युगांत रावून आपली रचना करता. हेच बाराबर हेर बरोवपी ते रितीन आपली अशी वेगळी रचना करतात.

कथाकार चंद्रकांत केणी कथाकार म्हूण कोंकणी कथेच्या मळार वावूरताले. तो काळ म्हणल्यार स दसकांचो आसा. कोंकणी कथा साहित्याच्या विकसीत नदरेंतल्यान हो काळ चड प्रमाणांत म्हत्वाचो थारता.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी लघुकथा साहित्याची सुरवात त्या वेळार केली ज्या वेळार गोंयांत पुर्तुगेझ राजवाट आसली. तशेंच छापणावळीची संद चड प्रमाणांत नासली. अशा वेळार कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्याची सुरवात केली. आपले कथा साधने विशीं सांगता आसतना कथाकार चंद्रकांत केणी म्हणटात, "साहित्य साधना ह्या उतरांचो अर्थ खुबूच व्यापक आसा... हांवें चडावत बरयलां तें कथा साहित्य. ह्या साहित्य प्रकाराक हांवें जिणेंतलीं तीन साडेतीन तपां ओंपल्यांत.... हांव कथा कित्याक बरयतां? म्हज्या म्हाकाच हो प्रस्न हांवें जायते फावटीं विचारल्ला. दर खेपेक म्हज्या मनान वेगळी वेगळी जाप दिल्या. त्या सगल्या जापांचो आज विचार केलो जाल्यार अशें म्हणचें पडटलें की विंगड विंगड कारणांखातीर हांवें कथा बरयली."[1]

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेच्या मळार कोंकणीक जें योगदान दिलें ते खातीर जाणकार तांकां आद्य कथाकार अशें म्हणटात. पूण कोंकणी साहित्याच्या मळार कथा योगदाना वांगडाच कोंकणींत नवे नवे साहित्यकार घडोवपाचें कार्य उल्लेख करपा सारकें आसा.

कथाकार चंद्रकांत केणी कोंकणी कथेच्या मळार ज्या कळांत वावूरताले त्या कळांत कोंकणी कथेंत जायते प्रवाह, प्रवृत्ती आनी वाद हांच्या प्रभावांतल्यान कथा विकसीत जायत गेली. तरी लेगीत हेर विंगड विंगड कथाकारां मदीं आपलें अशें वेगळें खाशेलपण राखून दवरलां.

जेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणी आनी त्या वेळा वयले कथाकार हांचो विचार करता आसतना एक गजाल मतींत दवरपाक जाय ती म्हणल्यार कथाकार चंद्रकांत केणीं कडल्यान खऱ्या अर्थान कोंकणी कथेची सुरवात जाली. कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा बरोवपाची सुरवात सुमार सोळा वर्सांचे पिरायेचेर केल्ली. ती सादारणपणान मरसर चालू आसली. जेन्ना कोंकणीच्या वाढविकासाचेर नदर भोंवडायता तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणींनी केल्ली प्रगतिशीलताय म्हत्वपूर्ण थारता.

कथाकार चंद्रकांत केणीं गोंय मुक्ती पयलीं लघुकथा बरयताले. पूण गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणी कथा खऱ्या अर्थान विकसीत जाली. ह्या काळांत विंगड विंगड कथाकारांनी आपलें अशें खाशेलें योगदान दिलां. सुमार 1950 ते 2009 मेरेनच्या काळा वयल्या विंगड विंगड कथाकारांचो विचार केलो जाल्यार तातूंत कथाकार अ. ना. म्हांबरो, दामोदर मावजो, मीना काकोडकार सारक्या कथाकारां वांगडा पुंडलीक नायक, जयंती नायक हांचे सयत मुखार माया खरंगटे सारके समकालीन कथाकार कोंकणी कथेच्या विकासाचो कालखंड थारतात वा पंगतीक बसतात. देखून कथेच्या मळार तांणी सुमार चार पिळग्यो कथाकारां वांगडा आपले कथा रचनेचो वावर केल्लो मेळटा.

पूण कथाकार चंद्रकांत केणींच्या समकालीन कोंकणी कथाकारंचो विचार केलो जाल्यार तांचे कथा रचनेचे समकालीन कथाकार म्हूण अ. ना. म्हांबरो, दामोर मावजो, मीना काकोडकार, शीला कोळंबकार सारके कथाकार मेळटात.

पुंडलीक ना. नायक ह्या काळा वयल्या समकालीन कथाकारां विशीं सांगता आसतना म्हणटात, “त्या काळावयले सातत्यान बरोवपी कथाकार म्हूण चंद्रकांत केणी, अ.

ना. म्हांबरो, गुरुनाथ केळेकार, मुकुंद केळेकार, फेलिस्यु कार्दोज, एवाग्रियु जॉर्ज हांच्या नांवाचो उल्लेख करूं येता. गोंय स्वातंत्र्या उपरांत जांची कथा साधना चालू उरली अशे कथाकार म्हणल्यार चंद्रकांत केणी आनी अ. ना. म्हांबरो." फुडें ते सांगतात, "गोंय स्वातंत्र्या उपरांतचें पयलें दशक म्हणजे 1970-80, हो कळा कोंकणी कथेच्या वैभवाचो काळ म्हणपाक जाय. ह्या कळांत नवे जाणिवेचे नवे संवदनेचे कथाकार तयार जाले. दामोदर म्हावजो, मीना काकोडकार आनी शीला नायक हीं तीन नांवां मुखेलपणान घेवपाक जाय."[2]

ह्या काळांत कवी बाकीबाब बोरकार, सुरेश काकोडकार, मनोहरराय सरदेसाय तशेंच उदय भेंब्रो सारक्या बरोवप्यांनी कथा बरयल्यात. पूण कोंकणी कथा विकसीत नदरेन तांणी केळोवंक ना. ह्या काळांत प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय सारक्या कथाकारांनी मराठी कथेच्या मळार जरी व्हड योगदान दिल्लें आसलें तरी ते तरेचें योगदान कोंकणी लघुकथेंत तांणी दिवंक ना. प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय आपले कोंकणी लघुकथेच्या संबंदान एकी कडेन म्हणटात, "कथा आनी ललीत लेख हांचे मदलो हो साहित्य प्रकार."[3]

प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांच्या कथा संबंदान उलयता आसतना मुकेश थळी म्हणटात, "लक्ष्मणरावांनी कथेच्या set patternक वा तंत्राक पाळो दिवंक ना, अशें किंचीत हांगासर ध्वनीत जाता. साहित्यांत कथा आनी व्यक्तीचित्र एकेकदां over lap जातात. कथा म्हणची काय व्यक्तिचित्र म्हणचें कांय दोनूय लेबलां दसोवचीं तेंय कळना."[4] जाका लागून प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय ह्या साहित्यकांचो ललीत लेख आनी व्यक्तीचित्रणा कडेन एकरूप जाता.

पूण जेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणींच्या समकालीन कथाकारांचो विचार करता तेन्ना अ. ना. म्हांबरो, दामोदर मावजो, मीना काकोडकार, शीला कोळंबकार हांचे भशेन मोजकेच कथाकार मेळटात. देखून कथाकार चंद्रकांत केणी समकालीन कथाकार म्हूण कथेच्या

मळार वावूरतल्यांनी कोंकणी कथेंत नवी प्रवृत्ती, तिचो दर्जो, तिच्या गुणवैशिश्ट्यां वांगडा दोश हाच्या साहित्याचो कथा साहित्यकारांच्या संक्षेपणांत विचार केल्लो मेळटा.

## अ. ना. म्हांबरो.

'अ. ना. म्हांबरो हांणी एबसर्ड कथा बरोवपांत आपलें खाशेलपण दाखयलां.'[5] कथाकार दामोदर मावजो अ. ना. म्हांबरे विशीं उलयतना म्हणटात, "अ. ना. म्हांबरो हांची कथा 'अ-कथा' ह्या प्रकारांत मोडटा. कथानकाबगर कथा फुलोवपाचें तंत्र अ. ना. म्हांबरे हांकां बेस बरें जमलां. फकाणां, भगल्यो मारीत समाजांतलीं धोंगां-पोंगां दाखोवपाची जाल्यार तांची तरा सामान्या भायली. 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' हे कथेंत तांणी पणजे शाराचेर आनी पणजेकारांचेर बरयिल्ले विचार हे पणजे पुरतेच मर्यादीत न्हय जाल्यार युनिव्हर्सल उपहास, बकच्छयो करीत चिमटे काडपी तांचे कथेक कांय जाण विनोद म्हणटात."[6]

अ. ना. म्हांबरे हे कोंकणींतले हांस्यात्मक कथेचें निर्माण करतात.[7] दामोदर मावजो अ. ना. म्हांबरो हांचे कथे संबंदीच्या वेगळेपणा विशीं उलयतना म्हणटात, "(अ. ना. म्हांबरो) हांगेले कथेची जातकुळीत वेगळी. पारंपारीक नदरेन ती कथा न्हय. 'अ-कथा' म्हणपासारकी 'absured' कथा. तांगेले कथेंत रंगरूप वगडायिल्लें गोंय आनी तिरसुवाद गोंयकार हांचें एके विक्षिप्त शैलेंत वर्णन केल्लें मेळटा. 'गवेंत उक्तें जायना' ही कथा घेवया. कथेंतलें कथानक इतलेंच गवेंत उक्तें जायना, आनी मागीर तरेकवार पात्रां कथेंत येतात वतात. तांगेल्या संवादांतल्यान समाजांतल्या धोंगां-पोंगांचेर तिरसुवाद उजवाड घालीत वाचप्यांक हांसयत, चिमटे काडीत वा सुतलायत कथा फुडें वता आनी ज्या अनिश्चीत वातावरणांत कथा सुरू जाता त्याच अनिश्चीत वातावरणांत सोंपता."[8]

"अनाल्या पुस्तकांनी कसलो जादू भरला, हांव नकळो. सगले पिरायेच्या घरांतले लोक अना वाचतात. आवडीन रुचीन! आनी पोले फुलोवन खतखतो आयिल्ले भशेन

हांसतात!”[9] अशें मुकेश थळी म्हणटा आसतना तांच्यो कथा कित्याक हास्यमय आसात तें सांगतात.

प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय अ. ना. म्हांबऱ्यांचे कथे विशीं सांगता आसतना म्हणटात, “अ. ना. म्हांबरो हो लेखक खूब विनोदी. उपरोध, उपहास, विडंबन अशा साधनांचो उपेग करून अ. ना. म्हांबरो खूब बरयत आसता.” फुडें ते म्हणटात, “‘absurdism’ हो एक तत्वज्ञानाचो पंथ. युरोप, अमेरिकेंत ताका खूब नेट आयला. ‘absurd’ म्हळ्यार अर्थ नाशिल्ले. आयुष्यांतल्या घडामोडींत कसलीच संगती ना. अमूक गजाल कित्याक  घडची हें  मनशाक सांगून येना? अपघात जावन निश्पाप भुरगें कित्याक मरचें? गुणी मनशाचेर संकश्टां कित्याक येवचीं? धड धाकट मनीस अचकीत कित्याक मरचो? ह्या घटनांचो अर्थ लागना. हे नदरेन विचार केल्यार ही कथा ‘absurd’ कशी तें कळना. दुसरे नदरेन म्हळ्यार वोनोदी नदरेन पळेत जाल्यार हे कथेक ‘absurd’ म्हणू येता. कारण तिका अर्थूच ना. लेखकाची नदर हीच आसूंक जाय.”[10]

जरी प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय अ. ना. म्हाबऱ्यांच्या कथांक अर्थ नाशिल्ल्यो अशें म्हणटा आसले तरीय लेगीत तातूंत अर्थ आसा. अ. ना. म्हांबरेनी ‘अकथा’ हो प्रकार कोंकणींत हाडलो. अ. ना. म्हांबरे आपले कथेंतल्यान समाजंतल्या लोकांच्या स्वभावाचेर हांसत बडी मारून मनशाचीं धोंगां पोंगां दाखयतात.

“दर कथे फाटल्या तंत्राचे नवे प्रयोग करपी प्रयोगशीळ कथाकार म्हूण कोंकणी साहित्यांत तांणी नांव जोडलां. प्रस्थापीत कोंकणी कथे परस तांची कथा वेगळी. कांयशी ‘absured’. मार्मीक भाशाशैली हो तांगेले कथेचो आनीक एक गूण.” अशें पुंडलीक ना. नायक अ. ना. म्हांबरेंच्या कथे संबंदींत आपलें मत उकतें करतात.[11]

आपल्या ह्या कथाप्रकारा विशीं उलयता आसतना, आपले कथेचेर संपादकाचे प्रतिक्रिये विशीं सांगता आसतना अ. ना. म्हांबरे म्हणटात, “... त्या मानान संपादक मातसो

वेगळो. एका संपादकान हांतले एके कथेक ‘एब्सर्ड’ म्हळी. दुसऱ्यान दुसरेक ‘खुसखुशीत’ म्हळी. तिसऱ्यान तिसरेक ‘अनाकथा’, म्हणून हांवें अशा कथांचो प्रवाह कोंकणींत सुरू केलो बी म्हळें.”[12]

अ. ना. म्हांबरे हांच्यो कथा म्हणल्यार ‘अ-कथा’ ह्या साहित्यप्रकारांत मोडपी अशो आसात. कोंकणींत हो सामकोच नवो प्रयोग आसा. प्रा. प्रकाश थळी तांच्या ह्या कथाप्रयोगा विशीं उलयता आसतना म्हणटात, “अ. ना. म्हांबरो हो सातत्यान कितें तरी बरयत रावपी लेखक. तांचे बरपावळीक खंयचें लेबल लावंचें असो एक प्रस्न वाचप्यांक आनी संपादप्यांक सतायत आयला. शेकी तांच्या कथांवरी दिसपी बरपावळीक (दामोदर मावज्याचे कृपेन) ‘अनाकथा’ हें बिरूद थीर जालां कशें दिसता.”[13]

कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार अ. ना. म्हांबरेन कोंकणी साहित्यांत ‘अकथा’ हो कथाप्रकार दिवन कोंकणी कथेक आपलें अशें खाशेलें योगदान दिलां. ‘अकथा’ हो तांणी कोंकणींत केल्लो एक खाशेलो प्रयोग अशें म्हणपाक जाता. व्यंग पद्दतींत विनोद वा हांस्य निर्माण करून मनशाच्या स्वभावाच्या धोंगां पोंगांचेर व्यंग निर्माण करून कथा मुखार व्हेल्या.

## दामोदर मावजो.

गोंय मुक्ती उपरांत कोंकणी साहित्याच्या मळार एक तेजिश्ट अशी कथाकारांची पिळगी मुखार आयली. तातूंत दामोदर मावजो हे एक. तांणी कोंकणी कथेक एक आगळो रुपकार दिलो. चड करून साश्टी वाठारांतल्या क्रिस्तांव समाजाच्या जिवितांतल्यो प्रादेशीक कथा तांणी बरयल्यो.[14]

“(दामोदर मावज्याल्यो) ह्यो कथा अव्वल कोंकणी. गोंयच्या हिंदू क्रिस्तांव लोकांनी माड्डिल्ले भुंयेंतल्यो. मावजो पसरकार. पसऱ्यार जीं मनशां येतालीं तीं तांणी सारकीं

नियाळून पळेल्लीं. तांगेलीं सूख-दुख्खां तांकां समजल्लीं आनी तींच तांणी आपल्या कथांनी चित्रायिल्लीं. मावजो हिंदू. पुणून साश्टींतल्या क्रिस्तांव समाजांत ते तनामनांत भरसल्ले. इतले भरसल्ले की ते तनामनान क्रिस्तांवूंच जाल्ले दिसतात. ‘गोंयची कथा’ तांचे लिखणेंतल्यान कोंकणींत आयल्या.” अशें दामोदर मावज्यांच्या कथां संबंदी रवीन्द्र केळेकार म्हणटात.[15]

कथाकार दामोदर मावजे आपले कथे विशीं उलयतना म्हणटात, “म्हगेल्यो चडश्यो कथा क्रिस्तांवांचे जिणेचेर बरयिल्लो आसात. हांवें अणभविल्लें हें विश्व. हिंदू कुटुंबांत जल्माक येवन क्रिस्तांव समाजा मदीं वाडिल्ल्यान म्हगेल्या अणभवविश्वाक दोट्टी पोड आसा. क्रिस्तांव समाजाची जीण कोंकणी भावविश्वांत जितल्या समर्थपणान चित्रायल्या तितली आनी कोणें चित्रावंक ना हें खरें. पूण हांव पूर्ण समाधानी ना. म्हज्या मर्यादांनी म्हाका होलमल्या तितली यथार्थताय हांवें हाडल्या. पूण तांचे जिणेचे खरीक हात घालपा इतली तांक म्हज्यांत ना. ह्या समाजांत अजुनूय जातीभेद आसात, खर वर्गभेद आसात. गांवकारीसंबंदान मतभेद आसात,... पूण ह्या समाजाचे अनेक प्रश्न अशे आसात जे परगटावपाखातीर त्याच समाजांतल्यान खरीक हात घालपाची तांक आशिल्लो लेखक जल्माक येवचो पडटलो.”[16]

कथाकार दामोदर मावज्यांच्या कथांनी गोंयच्या साश्टींतल्या क्रिस्ती समाजाची वळख जाता हें कोण न्हयकारूंक शकना. तातूंत तांची आपली लोकजीण आनी आपले अशे खाशेले प्रश्न आसात. ह्या संबंदान डॉ. किरण बुडकुले म्हणटात, “दामोदर मावजो हांचे कथेचें बीज मनोविश्लेशणात्मक आसा, हाची ‘रुमडफूल’ ही कथा गवाय आसा. तिका सामाजीक यथार्थाची आनी ताच्या खर झळपाची जाणविकाय आसा. साश्टीचे दर्यादेगे वलो वाठार, थंयची लोकजीण, थंयचे प्रस्न आनी थंयची भास नदरेंत भरपा सारके तांगेले कथेंत पालेता.”[17]

प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय कथाकार दामोदर मावज्यांचे कथे संबंदान उलयता आसतना म्हणटात, “दामोदराचे प्रतिभेक भुंयभाशीक प्रेरणेची झर मेळ्ळया. ताका लागून ती फसफसता, मात्ता, तिका रंग भरतात, फुलां धरतात, फळां येतात.”[18]

दामोदर मावज्यांले कथेंत साश्टी वाठारांतलो गांवगिरो वाठार येता. तांचे वांगडा तसली भास आनी वातावरण येता. तशेंच कोंकणी कथेक नवे आयाम दिवपाचें कार्य तांणी कथेंतल्यान केल्लें आसा.

## शिला कोळंबकार (नायक).

शिला कोळंबकार हांची सगल्यांत पयली कथा म्हणल्यार ‘गॅर’. आपले पयले कथे विशीं सांगता आसतना त्यो म्हणटात, “खरें म्हळ्यार ही कथा बरोवंक बशिल्लें मराठींत. मदीं तातूंत ‘आयतार फुलयतालें’ ह्या उतराक दुसरें मराठी पर्यायी उतर मेळ्ळें ना. तेन्ना साक्षात्कार जाल्लेवरी जालें की हांवें कोंकणींत बरोवंक जाय, मराठींत न्हय. कोंकणींतल्या उतरांक जो उडलायणो म्होंवो आशय आसता, जी रूच आसता, जी सोबीतकाय आसता ती मराठींतल्या शब्दांक ना.”[19]

डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार कथाकार शिला कोळंबकारांच्या कथां विशीं उलयतना म्हणटात, “शीला कोळंबकार हांची कथा वाचतगेर वेगळोच अणभव येता. तांचे कथेंत उमाळ्यांचें इतलें खोल परगटण जालां की, तांची कथा काव्यात्मक जाल्या. तांचें भावुक आनी सपनाळू मन तांचे प्रत्येक कथेंत उकतें जाता. तांची निवेदनाची रितूय तांची भावुकताय दाखयता. थोड्या उतरां भितर प्रसंग-चित्रां आनी तातूंतल्यान व्यक्तीचित्रां उबीं करपाची तांची कुशळटाय मनभुलयणी आसा. आपणाल्या पात्रांच्या मन-दर्यांत खोल उडकी मारून तांचें उमाळे अचूकपणान हातांत धरपाचें सामर्थ्य तांचे लिखणेंत आसा. भुरग्यांली भाव-जीण चितरावची ती सौ. शीला कोळंबकार हांणीच. इतली कुशळटाय आशिल्लो दुसरो कथाकार कोंकणी साहित्यांत आजून येवंक ना, अशें म्हणप हें मात्तूय अतितायेचें थरचें ना”.[20]

पुंडलीक नायक कथाकार शिला कोळंबकारांच्या कथांचो पुराय नियाळ करून तांच्या कथां विशीं आपलें मत अशें दितात, “शिला कोळंबकार ह्यो सहृदय आशिल्ल्यो लेखिका. दुसऱ्याचें दुख्ख जाणून घेवपाची तांक तांचे कथेंत आसा. मनशाक भायल्यान तशेंच तागेल्या अंतरंगासयत साहित्यांत उबो करपाचें कसब तांकां सादलां. चिंतनशील वृत्ती हो लेखकाच्या व्यक्तीमत्वाचो एक विशेश. तांगेली शैली, सादी निजाचें व्हांवतेपण आशिल्ली, जिका अळंकरणाचो सोस ना अशी आनी संवादात्मक आसा.”[21] कथाकार शिला कोळंबकारांच्या कथांनी चडशीं व्यक्तीचित्रां दिसतात. ह्या तांच्या कथां विशीं उलयता आसतना प्रा. एस. एस. नाडकर्णी म्हणटात, “शिलान बरयिल्ल्या ह्या व्यक्तीचित्रांक जें सोबीत रूप लाबलां, ताचो जेन्ना हांव विचार करतां तेन्ना तांचे कांय म्हत्वाचे घटक म्हाका जाणवतात.... वाचप्यांच्या दोळयां मुखार ह्यो व्यक्ती उब्यो करपी शिलाचे भाशाशैलीचीं वैशिश्ठ्यां जाणवतात. एक म्हळ्यर, तिच्यांतली संवादात्मकताय आनी दुसरें म्हळ्यार, तिचें सादें, अळंकरणाचे हावेस नाशिल्लें रूप.”[22]

शिला कोळंबकार ही मिश्कील शैलेंतल्यान मानवी मुल्यांक हात घालपी कथा बरोवपी अशी फिशाळ लेखिका.

उल्हास यशवंत नायक शिला कोळंबकारांचे कथेंत चडशीं व्यक्तीचित्रां दिश्टी पडटात अशें म्हणटात. फुडें ते म्हणटात, “शिला नायकान चित्रायल्लीं व्यक्तीचित्रां वाचप्याच्या मनाकडेन उपाट करुणेन भरिल्ले नदरेन सडसडीत उलोवंक लागतात. वाचप्यांचें, समाजाचें अंतरविश्व जागयतात, थोड्याच प्रसंगांनी व्हड तत्वां सांगीत आपली कथा फुलयता. रांगोळेवरी केन्ना भाशे रंगात ओलसाण घेवन तर केन्नाय जिवसाण घेवन वास्तवतेचे कलेचे संस्कार घालून खंयच्याय व्यक्ती वा घडणूकेचेर प्रभाव घालून नवें चितारता. तिणें गुंथिल्ल्यो कथा वळेसरांतलें एक एक फूल कशें परमळत रावतात.”[24]

शिला कोळंबकारांचे कथेंत भुरग्यांचें मन चड खोलायेन आनी तांच्या हेर व्यक्तींचें तितलेंच मनोविश्लेशण केल्लें आसा. ह्या संबंदान मेधा कुंदे म्हणटात, “शिला ल्हान

भुरग्यांकडेन आनी तांच्या प्रश्नांकडेन वेगवेगळ्या कोनशांतल्यान पळयता. तांचें जाण्ट्या मनशांक न समजुपी भाव तें अचूक पारखिता आनी तांचे प्रत्येक करणेन न्याय दिवपाचो येत्न करता. तांचीं मनां रंगयतना, तांचें व्यक्तीमत्व घडोवपांत आवय बापायचो आनी भोंवतणच्या लोकांचो कसो वांटो आसता हें शिला आपणाले कथेवरवीं समाजामुखार दवरता आनी भुरग्यांकडेन शिटूकसाणेन कशें वागूंक जाय हाची नकळत जाणविकाय करून दिता."[25]

शिला कोळंबकारांच्या कथांनी चडशीं व्यक्तीचित्रां उठून दिसतात. तांच्यो चडशो कथा ह्यो मनोविश्लेशणात्मक प्रकाराच्यो दिसतात. तातूंत मिश्कील शैलींतल्यान मानवी मुल्यांचेर चड भर दिल्लो मेळटा.

## मीना काकोडकार.

गोंयांतल्या मध्यमवर्गियांच्यो भावना आनी तांचे उत्फर्के मीनाबायच्या साहित्यांतल्यान दिश्टी पडटात. ह्या वर्गाचीं दुख्खां आनी सुखां तांणी आपले लिखणेंतल्यान बेस बरीं मांडल्यांत.[26] तिच्या कथां विशीं सांगता आसतना दामोदर मावजे म्हणटात, "मीना काकोडकार हांगेल्या कथेंतलें भावविश्व तिच्या अणभवांतलें..."[27]

मीना काकोडकारांच्या कथांचो नियाळ करून पुंडलीक नायक अशें मत व्यक्त करतात, "गोंयचे मध्यमवर्गी जिणेचें चित्र तांगेल्या कथांनी येता. मिश्कील शैले खातीर तांगेल्यो लागून तांगेल्यो कथा वाचनीय जातात. हांसयतां हांसयतां करूण रसाची निर्मती करपाचें कसब तांकां सादलां. भावनाप्रधानताय आनी स्वप्नरंजकताय हे तांगेल्या कथांचे गुणविशेश."[28]

मीना काकोडकारांच्या कथांचेर उलयता आसतना प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय म्हणटात, "मीनाबायचे नदरेक लोकांचीं दुख्खां दिसतात. वयल्या आनी सकयल्या तळांचीं.

वयल्या परस सकयल्या तळांची अदीक. ती कळवळटा. त्या दुख्खांचेर फुंकर घालता. वेव्हाराच्या तापान मन भेरेल्ल्यान वा स्वार्थकेंद्रीत जाल्ल्यान सर्व सामान्य मनशाक ज्यो व्यथा दिसनात त्यो तिका दिसतात. जीं दुख्खां दिसनात तीं तिका दिसतात. तांचे मंद आनी तिव्र सूर तिच्या वेंचीक उतरांसून भायर सरतात. आनी ते वाचप्यांच्या काळजांत रोंमतात. मीनाबायचे करुणेचे पाट बारीक मोटीं, धवीं-तांबडीं तरेकवार रुपां घेवन व्हांवतात. कथेप्रमाण व्यथा वेदना बदलतात. 'दोंगर चंवल्ला' हे कथेंतली व्यथा एके तरेची, 'तळमळे' हे कथेंतली दुसरे तरेची. 'स्वीट ड्रीम्स' मदली तिसरे तरेची. वेगवेगळ्या भावनांचे बारीक रस्मी दागे सगळ्या कथांनी आसात. कारण पात्रांकडेन मीनाबायन करुणेचें नातें जोडलां."[29]

डॉ. किरण बुडकुले, मीना काकोडकारान कोंकणी कथेंत दिल्ल्या योगदाना विशीं सांगता आसतना तांचे कथेचेर उजवाड घालतात आनी अशें सांगतात, "मीना काकोडकार ही संवेदनशील लेखिका. तंत्र, निवेदन, आशय आनी दृश्टीकोण ह्या कथाकाराच्या कथालेखनाच्या सगळ्या आंगांचे विलक्षणाचे तांकदीर शारी-ग्रामीण मनशांचें तशेंच जनावरांचें सगल्यांच्या अनुभवांचें विश्व तिचे कथेंत दिश्टी पडटा. ही कथाकार आपले कथेंत बाल आनी स्त्री मनाचो मानसीकतायेचो अतिशय सुरेख आविश्कार आपल्या कथाविश्वांत साकारता.[30]

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय कथाकार मीना काकोडकारान कोंकणी कथेक नवें 'dimension' दिलें अशें म्हणटात.[31] गोंयच्या मध्यमवर्गी समाजाचें चित्र तांच्या कथांनी पडबिंबीत जाता. तातूंत मिश्कील शैलेंत बरयल्ल्यो ह्यो कथा तांचें आपलें खाशेलपण राखून दवरता. तशेंच तांच्या कथेंतल्यान तांणी कांय व्यक्तीचित्रणां उबीं केल्लीं दिश्टी पडटात.

## निश्कर्शः

कोंकणी कथेच्या मळार कथाकार चंद्रकांत केणींनी सुरवेक सावन कथा बरोवपाचो वावर केल्लो आसा. कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेक नव्या आयामां वांगडाच

संवसारीक पांवडो दिल्लो आसा. कथाकार चंद्रकांत केणी वांगडा हेर कथाकार म्हणल्यार अ. ना. म्हांबरो, मीना काकोडकार, शिला कोळंबकार आनी दामोदर मावजो सारके समकालीन कथाकार आसात. तशेंच कथाकार चंद्रकांत केणींचो काळखंड हो कोंकणी कथेच्या काळखंडांत म्हत्वाचो आसा. चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेक आपलें अशें खाशेलें योगदान दिल्लें आसा. तशेंच दामोदर मावज्यालें आपलें अशें खाशेलें योगदान आसा. अ. ना. म्हांबरेंनी कोंकणींत 'अ-कथा' हो प्रकार हाडलो. तेच तरेन मीना काकोडकार आनी शिला कोळंबकार हांणी कोंकणी कथेक आपलें अशें खाशेलें योगदान दिल्लें आसा. निश्कर्श स्वरुपांत चंद्रकांत केणींनी समकालीन कथा साहित्यांत बहुआयामी आनी गोंय मुक्ती सावन कथा साहित्य बरोवपाक सुरवात केली. पूण समकालीन कथाकारां मदीं कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपलें खाशेलपण राखून दवरून कोंकणी कथेक नवे आयाम दिल्यात.

***

# <u>संदर्भ.</u>


1. .... कोंकण टायम्स, दिवाळी अंक 2001. पान, क्र. 9. लेख : म्हजी साहित्य साधना. : केणी, चंद्रकांत.
2. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.
3. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). कोंकणी कथासंग्रह. साहित्य अकदेमी, दिल्ली; दुसरी खेप 1989. पान, क्र. प्रस्तावना.
4. ... जाग, जानेवरी 1999. पान, क्र. 24. साहित्य नियाळ.
5. गोमिश, ओलिवीञ्यु. कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास. कोंकणी सरस्पत प्रकशन, चांदर-गोंय; पान, क्र. 117.
6. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003. पान, क्र. 228.
7. गौतम, सुरेश. (संपादक). भारतीय साहित्य कोश - एक. संजय प्रकाशन, दिल्ली; 2008. पान, क्र. 411.
8. ......... (संपादक). साहित्य शिल्प. गोवा कोंकणी अकदेमी, पणजी-गोंय; 1995. पान, क्र. 128.
9. ... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2007. पान, क्र. 8. मुलाखत : अ. ना. म्हांबरो हाची : थळी, मुकेश.
10. केणी, चंद्रकांत. (संपादक). कोंकणी कथासंग्रह. साहित्य अकदेमी, दिल्ली; दुसरी खेप 1989. पान, क्र. प्रस्तावना.
11. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.
12. म्हांबरो, अ. ना. पणजी आतां म्हातरी जाल्या. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. प्रस्तावना.
13. जोग, गजानन रघुनाथ, रुद्र, अपुरबाय प्रकाशन, फोंडें-गोंय; 1986, पान, क्र. प्रस्तावना.

14. हळर्णकार, तानाजी. (संपादक) कोंकणी विश्वकोश - 3. गोंय विश्वविद्यालय, ताळगांव-गोंय; पान, क्र. 681.
15. .... जाग, फ्रेबुवारी 2009. पान, क्र. 6. लेख : नव्या पर्वाच्या हुमऱ्या वयल्यान .... : केळेकार, रवीन्द्र.
16. मावजो, दामोदर. भुरगीं म्हगेलीं तीं. अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव-गोंय; 2001. पान, क्र. 10.
17. बुडकुले, किरण. साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी कायारूपां. ॐ श्री. दत्त पद्‍मजा प्रकाशन, काणकोण-गोंय; 1988. पान, क्र. 48.
18. प्रा. सरदेसाय, लक्षणराव. कथा शिल्प. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1977. पान, क्र. 48.
19. .... जाग, दिवाळी अंक 1985. पान, क्र. 85. लेख : म्हजी कथा : कोळंबकार, शील.
20. नागेवेंकार, हरिश्चंद्र. आस्वादन. गोंयकार प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1987. पान, क्र. 88.
21. कोळंबकार, शीला. कथाशील. गोवा कोंकणी अकदेमी, पणजी-गोंय; 2007. पान, क्र. प्रस्तावना.
22. कोळंबकार, शीला. भुंय चाफीं. जाग प्रकशन, प्रियोळ-गोंय; पान, क्र. 10-16.
23. .... जाग, जानेवरी - एप्रील 2010. पान, क्र. 9. लेख : कथांजलीचे निमतान .... : मावजो, दामोदर.
24. .... कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक 1987. पान, क्र. 50. लेख : म्हाका आवडलेल्यो कोंकणी कथा : नायक, उल्हास यशवंत.
25. ... कुळागर, मे 1985 पान, क्र. 28. लेखः कोंकणी लेखिकांचें कथा साहित्यः कुंदे, मेधा.
26. .... जाग, जून 2005. पान, क्र. 13. मुलाखत : काकोडकार, मीना.
27. मावजो, दामोदर. भुरगीं म्हगेलीं तीं. अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव-गोंय; 2001. पान, क्र. 9.

28. नायक, पुंडलीक ना. (संपादक). समकालीन कोंकणी लघुकथा. नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998. पान, क्र. प्रस्तावना.

29. प्रा. सरदेसाय, लक्षणराव. कथा शिल्प. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1977. पान, क्र. 13 - 14.

30. बुडकुले, किरण. (संपादक). कोंकणी कथा मराठी. साहित्य अकादेमी; 2001. पान, क्र. प्रस्तावना.

31. Sardessai, Manoharrai. A History of Konkani literature. Sahitya Akademi, New-delhi. 2000. पान, क्र. 199.

## 3.3 चंद्रकांत केणींचीं खाशेलपणां.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी सुमार पांच दसकां कथा साहित्याची निर्मणी केली. कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्यांत आपलें खाशेलें योगदान दिल्लें आसा. कोंकणी कथेक नवो आशय, नवो विशय, नवो मंत्र आनी नव्या विशयांत भर घालून कोंकणी कथेंत तांणी विंगड विंगड प्रयोग केले. देखून कथा संवसारीक पांवड्यार व्हेल्या. तशेंच कोंकणी कथेंत तांणी विंगड विंगड प्रयोग केल्ले आसात. देखून तांचे कथेंतल्या मुखेल खोशेलेपणांचो अभ्यास हांगा केला. तातूंत -

- कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथेंतली संवसारीकताय.
- कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथेंत आयिल्ली अस्तुरी.
- कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा प्रयोगांत कथा रचना.

अशीं खाशेलपणां हांगा आभ्यासांत घेतल्यांत.

## कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथेंतली संवसारीकताय.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो कथा म्हणल्यार संवसारीक तत्वाचेर आदारीत आसात. कथाकार चंद्रकांत केणींक कोंकणी कथा विश्वांत संवसारीक पांवड्याचे म्हूण वळखतात. देखून भारतीय साहित्य कोशांत कथाकार चंद्रकांत केणींची वळख दिता आसतना तातूंत ह्यो ओळी नोंदिल्ल्यो मेळटात, “चंद्रकांत केणी म्हळ्यार कोंकणींतले अद्वितीय कथाकार आसात. तांचे अनुभव ज्ञान व्यापक आसा जाका लागून तांच्यो कथा ह्यो सर्वभौमीक आसात.”[1]

कोंकणी साहित्यांत ‘संवसारीक’ ह्या उतराचीं पर्यायी उतरां म्हूण ‘विश्वात्मक’ वा ‘विश्वीक’ तशेंच ‘सर्वत्रिक’ ह्या रूपांत घोळटात. कोंकणींतल्या ‘संवसारीक’ उतराक इंग्लेज भाशेंत ‘युनिवर्सल’ अशें पर्यायी उतर मेळटा. प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय ‘संवसारीक’ उतराच्या बदला ‘विश्वात्मक’ म्हळ्यार ‘युनिवर्सल’ ह्या पर्यायी उतराचो वापर करून

कोंकणी साहित्यांत चालीक लायिल्लें दिसता.[2] तर उदय भेंब्रें हांणी 'युनिवर्सल' ह्या उतराक पर्यायी उतर म्हूण 'संवसारीक' उतर वापरिल्लें मेळटा.[3] तर इंग्लिश कोंकणी शब्दकोशांत ह्या उतराचो अर्थ कोंकणींत दिता आसतना 'सार्वत्रिक' असो दिला.[4]

देखून कोंकणी साहित्यांत 'संवसारीक' ह्या उतराचो वापर 'संवसारीक', 'युनिवर्सल', 'विश्वात्मक'/'विश्वीक' आनी 'सार्वत्रिक' ह्या चार मुखेल तरांनी घोळटा आसलो तरी चंद्रकांत केणींच्या संदर्भांत जेन्ना जाणकार उलयतात तेन्ना तांच्या कथांनी 'संवसारीक' अशें उतर चड वापरिल्लें मेळटा देखून होच हांगा घेतला.

संवसारीक हें उतर इंग्लेज साहित्यांत 'universal'\'universality' ह्या उतराच्या रूपांत घोळटा N. R. Pathak 'युनिवर्सल' (universality) ह्या उतराचो अर्थ असो दितात, "*A critical term frequently applied to a piece of writing that appeals to all readers of all times. Literature dealing with human characteristic that do not change with time or place, may be said to have universality of appeal*".[5] हाचो प्रतिपादांत घोशार्थ असो आसा, "जें लिखाण खंयच्याय काळांतल्या वाचप्यांच्या मनाक भावता आनी जें साहित्य मनशाच्या गूणधर्माक धरून चलता आनी देश वा काळ हांचे प्रमाण बदलना ताकाच विश्वीक अशें म्हणूं येता." असो एक टिकात्मक संदर्भ लावं येता.

*Hary Shaw's* हे साहित्यांत येवपी युनिवर्सल ह्या शब्दाचो अर्थ दिता आसतना अशें म्हणटात, "*the comprehensive of the universe; existence everywhere. Universality is quality in literature which gives it a significance and appeal not limited to place or time. when writing present emotions and actions common to all people of all civilization in way that remain meaningful indefinitely, that writing possess universality*".[6]

Hary Shaw's हांची परिभाशा अर्थात अशी जाता, "बहुसमावेशक विश्वाचें अस्तित्व सगळे कडेन आसा, युनिवर्सलिटी हो साहित्यीक गूण. म्हत्वाचें म्हळ्यार तो एक

देश काळा मेरेन मर्यादीत आसना. जेन्ना बरोवपांत जी भावना आनी कार्य (action) सगळ्या मनशांक, सार्वजनीक, खंयच्याय काळांतले सभ्यतायेक, जें अर्थपूर्ण अनिश्चीतपण राखून दवरता तें बरोवप म्हळ्यार 'संवसारीक' म्हळ्यार 'युनिवर्सल' थारता".

कोंकणी साहित्यांत जेन्ना आमी 'संवसारीक' तत्वाचेर विचार करतले तेन्ना कोंकणी साहित्य तत्वांचेर चड व्हडलो अभ्यास जाल्लो दिश्टी पडना. कोंकणी साहित्यांत ह्या शब्दाचेर तशी कांय कडेन भासाभास जाल्ली पळोवपाक मेळटा.

कोंकणी साहित्यांत दिसपी संवसारीकताये विशीं पयली भासाभास करपी मेळटात ते म्हणल्यार प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाय आपल्या 'कथाशिल्प' ह्या पुस्तकांत आपले संवसारीकताये विशीं आपलें मत अशें उक्ते करतात. ते म्हणटात, "संवसारांतलें खंयचेंय साहित्य, जांव पोन्नें जांव नवें, प्रादेशिकूच आसता. प्रादेशिकताय नाशिल्लें साहित्य संवसारांत नाच म्हळ्यार जाता. रामायण, म्हाभारत सारक्या पोरण्या साहित्यांत लेगीत प्रादेशिकताय दिश्टी पडटा. ..... प्रादेशीक वेगळेपण समजून घेवपाची आनी तें उक्तावन दाखोवपाची तांकद साहित्यिकांत आसूंक जाय. तेच भशेन विश्वात्मक (universal) अशें जें कितें जिवितांत आसा तेंय समजून घेवपाची आनी उक्तावन दाखोवपाची शक्त तांच्यांत आसूंक जाय. म्हळ्यार अशें, साहित्यांत प्रादेशीक वेगळेपणूय आसूंक जाय आनी विश्वात्मक तत्त्वूय आसूंक जाय. वेगळे वेगळे कडलीं मनशां भाशेन, भेसान, रुपान, रंगान वेगळीं वेगळीं दिसली तरूय सगळ्यांचे मुळावे गूण आनी अगूण एकेच तरेन आसतात. मोग, माया, दया, क्षमा, साहस, वात्सल्य तशेंच तिडक, दुस्वास, मत्सर सगळ्यांचे सारकेच. श्रेयाच्या आनी प्रेयाच्या कलहांत मनशाची जीण उक्ती जायत वता तेन्ना जें कितें मुळावें universal आसता तें आपशींच वयर सरता. साहित्यांत तें येवंक जाय. प्रादेशीक आनी विश्वात्मक हांचे मजगतीं विरोध आसा अशें समजप अजाणपणाचें लक्षण. जें खरें प्रादेशीक तेंच विश्वात्सक. कित्याक, हें विश्वात्मक उक्तें जाताच प्रादेशीक मनशांतल्यान, समाजांतल्यान आनी सैमांतल्यांन".[7]

एन्. शिवदास कोंकणी साहित्यांतले संवसारीकताये विशीं विचार करतात. ह्या संबंदान एन्. शिवदास अशें म्हणटात, "गोंयांतल्या कोंकणी साहित्याची प्रादेशीक लक्षणां

म्हळ्यार ताचे Regional features' हे गोंयकारांच्या साहित्यापासून तशेंच वेगळे काडून दाखोवंक मेळचेना वा Regional and universal अशे वेगळावन दाखवप कठीण. कारण गोंयांतलें आख्खें कोंकणी साहित्य हें जल्माक येतनाच आपणाले प्रादेशीकतेचें आंगलें आनी तोपलें आंगार घालूनच जल्माक येता".[8]

ह्या संबंदान चंद्रकांत केणी म्हणटात, "ज्या साहित्याचो भुंयेकडेन संबंद नासता तें साहित्य न्हय अशें कोण म्हणचो ना. साहित्याचो तो एक आगळो वेगळो प्रकार म्हणूं येत".[9]

साहित्यांत दिसपी संवसारीकताये विशीं उलयता आसतना रवीन्द्र केळेकार आपले अशें मत व्यक्त करतात, "समाजापसून अलिप्त साहित्य आसूं येता व्हय? कविता आसूं येता.... कथा, नवलकथा, नाटक अलिप्त कशें जातलें? तें localक बांदिल्लेंच उरतलें. पुणून ह्या लोकलांतूच एक युनिव्हर्सल तत्व आसता. ..... टाइपलेस तत्व आसता. ....... तें काळाय पेल्यान वता, थळाय पेल्यान वता, म्हूण पुश्कीन आमकां आवडटा. गोर्की आवडटा...... रवीन्द्रनाथ 'universal man' आशिल्ले. तरूय नखशिखांत बंगाली आशिल्ले. बंगाली रावुनूय तांकां युनिव्हर्सेल जावंक आयिल्लें... साहित्यूय अशेंच शुद्ध गोंयचें आसुनूय जंपानी लोकांक, आर्जेन्तिनांतल्या लोकांक अपील जांव येता. .......".[10]

जेन्ना कोंकणी साहित्यांत चंद्रकांत केणींच्या कथांचेर संवसारीक विचार करता तेन्ना चंद्रकांत केणींनी आपलें कथा साहित्य कोंकणी देवनागरी भाशेंतल्यान केल्लें आसा जें कोंकणी वाचकां पुरतें मार्यादीत आसा (कांय कथा अणकार जाव हेर भासांच्या साहित्यांत पावल्यात). तर कोंकणी साहित्यांत चंद्रकांत केणींनी आपले अशें विश्व तयार केल्लें आनी ह्या विश्वांतल्यात तांणी कथा संवसारीक तत्वां कडेन व्हेल्या. जर आयज तांची कथा ही कोंकणी वाचका मेरेन मर्यादीत आसा जाल्यार त्या वाचकाक लेगीत तातूंत संसारीकताय दिश्टी पडटा. पूण आयज चंद्रकांत केणींच्यो कथा कोंकणी आनी कोंकणी वाठारा मेरेन मार्यादीत आसल्यो जाल्यार जर केन्ना त्यो हेर संवसारीक साहित्या मेरेन पाविल्लो जाल्यार लेगीत त्या कथेंतल्या संवसारीकतायेचें मोल इल्लेंय उणें जावचें ना.

कांय साहित्यकारांच्या कथा साहित्याक सामाजीक-संस्कृतीक (socio-cultural) फाटभूंय आसता. जाका लागून साहित्य एका विशिश्ट सामाजा कडेन बांदपाक आसले तर ते आपल्या वाठारांतल्या संवसारीक तत्वां कडेन वता. देखून अशें म्हणपाक जाता की जंय विशिश्ट साहित्य हें प्रादेशीक आसून लेगीत तें संवसारीक थारता पूण कांय साहित्यकारांचे साहित्य हें मुळावीं संवसारीक तत्वां घेवन येता.

तशेंच चंद्रकांत केणींच्या कथांक एक विशिश्ट सामाजीक संस्कृतीक फाटभूंय ना. तशेंच तांच्या कथांनी भौरंगी वाठार दिश्टी पडटा. पूण तांच्यो कथा एका विशिश्ट समाजा कडेन बांदपाक जाय. तशेंच तांच्या कथांनी चड भर घडणुकांचेर दिल्लो आसता.

संवसारांतल्या सगळ्या मनशांनी सुखां आनी दुख्खां, उमेदी आनी निराशा, मोग आनी मत्सर, ओड आनी तिरस्कार, भंय आनी धिटाय भरिल्ली आसता. सगळ्या मनशांनी हे गूण आसतात. कारण हे मनशाचे मूळ गूण वा सैम जेन्ना एकद्रें दुख्ख आयलें जाल्यार तो दुख्खी जाता. जेन्ना एकद्रो साहित्यीक हें आपलें अणभव विश्व वापरून आपली रचना करता तेन्ना तातूंत दर वाचप्याक ती आपली अशी दिसता तेन्ना तें साहित्य संवसारीक तत्वां कडेन नातें जोडटा.

जेन्ना एकद्रो साहित्यीक आपल्या साहित्यांत अशीं रचना करता जी वाचतकच वाचपी ते रचने कडेन एकरूप जाता तेन्नाच ते साहित्य संवसारीक तत्वां कडेन नातें जोडटा. असल्या साहित्या विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी एके कडेन बरयतात, “जेन्ना साहित्य लोकजिणेचो वांटो जाता, लोकांक साहित्यामदीं आपले जिणेचें रूप दिसूंक लागता, तेन्ना त्या साहित्यिकाक लोक निखटो माथ्यार उखलून ओगी रावनात तर काळजाच्या शिंवासनाचेर ताका बसयतात”.[11]

कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो कथा ह्यो संवसारीक पांवड्या वयल्यो कथा म्हूण वळखतात. तांणी जें कथालेखन केल्यां तातूंत तांच्या चडशा कथांक संवसारीक बसका आसा. हीं तत्वां जशीं तांच्या संग्रहीत जाल्ल्या कथांनी दिसतात त्याच प्रमाणांत तीं तांच्या असंग्रहीत कथांनी लेगीत दिसतात.

तांच्यो कथा खंयच्या एका वाठारा कडेन वा समाजा कडेन बांदून उरनात. तशेंच त्या कथांक सामाजीक सांस्कृतीक फाटभूंय (scio-cultural background) चड प्रमाणांत दिश्टी पडना. पूण कांय कथांचो आडवाद करचो पडटा जातूंत तांणी गोंयचें कांय प्रमाणांत चित्रण केलां. पूण तें लेगीत विशयाचे नदरेंतल्यान संवसारीक तत्वां कडेन नातें जोडटा. तांच्या कथां विशीं उलयता आसतना डॉ. मनोहरराय सरदेसाय म्हणटात, "तांच्या कथांनी गोंयच्या वाठारांतचीं, गोंयच्या मनशांचीं वर्णनां आसलीं तरी तांच्यो कथा सगल्या संवसाराक लागपी अश्यो विश्वव्यापक".[12]

तांचो पयल्या सुरवातीच्या काळा वयल्या कांय कथाचो आडवाद केलो जाल्यार तांच्या 'धर्तरी अजून जियेताली' उपरांत 'अळमी' आनी मागीर 'व्हंकल पावणी' सारक्या कथा संग्रहांनी संवसारीक तत्वां भरसल्लीं दिसतात. डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकारां सारकें जाणकार चंद्रकांत केणींचे कथेंत दिसपी हीं संवसारीक तत्वां म्हळ्यार तांचे कथेंचें एक वैशिश्ठ्य अशें मानतात. डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार अशें म्हणटात, "कोंकणी कथेची बुन्याद घालपी श्री. चंद्रकांत केणी हांच्या कथेचीं कांय वैशिश्ट्यां वयर नमूद केल्लीं आसात. तांचें ठळकपणान नदरेंत भरता. अशें आनीक एक वैशिश्ट्य आसा, तें म्हणल्यार तांच्या कथेंतलें कथा सुत्र विशिश्ट वाठारा कडेन बांदिल्लें ना. तांचे कथा विशय विशिश्ट प्रदेशां कडेन संबंदीत नात. तांच्या कथानकांक विश्वात्मक स्वरूप आशिल्लें दिसता".[13]

ऍड. उदय भेंब्रे जेन्ना चंद्रकांत केणींच्या ह्या संवसारीक तत्वांचेर आपले विचार व्यक्त करतात तेन्ना ते अशें म्हणटात, "संवसारीक तत्वांक लागून कोंकणी कथेचें मोल उणें जावंक ना. तर उरफाटें तें वाडलां अशें मानतात. हाका लागून (संवसारीक तत्वांक लागून) ह्या कथांचें मोल इल्लेंय उणें जावंक ना. उरफाटें तें वाडलां, कारण कथा प्रादेशीकपण सोडून 'संवसारीक' जाल्ल्यात. ह्या कथांचे विशय विश्वव्यापी आसात आनी देखून ते कोंकणी कथेक 'संवसारीक' माचयेर व्हरून बसयतात.[14]

संवसारीक दर्शन घडोवपी कथा ही एका विशिश्ट वाठार वा देशकाळ वा वेळ आनी मनशा कडेन बांदिल्ली आसना. देखून दर एका वाचप्याक ती वाचता आसतना कथा आपली कशी दिसपाक लागता आनी ते कथे कडेन तो एकरूप जाता.

'धर्तरी अजून जियेताली', 'मेकळीक', 'गोविंद', 'विसंगत', 'राती वेळार', 'फुलकान्न', 'आमलें तोर', 'फातरी पोंदची आंकरी', 'चेंबू', 'रातीच्या धा वरांचेर', 'चीन पीक', 'चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत', 'बंदिनी', 'मुग्धा', 'अबुध्द मोग', 'पातकी मन', 'व्हंकल पावणी', 'नातें रगताचें', 'ओली पांखा', 'याद आसा', 'रीना जोझेफ', 'मिस् डायना डिसूझा', 'आमचे मदलीं तीं', 'अनोळखी', 'पराजिता', 'निरोप', 'खंत ना, खेद ना', 'अणभव' सारक्यो आनीक कथा आसात ज्यो एका समाजा कडेन वा एका वाठारा कडेन बांदून रावनात. ह्या संबंदान उल्हास यशवंत नायक म्हणटात, "तांची कथा भोंवतणच्या संवसाराक बांदून उरता. संवसारांतली सगळीं मळां भोंवून संवसाराचें दर्शन कथेंतल्यान घडोवपी आदर्श पिळगेंतलो प्रतिनिधी. ह्या कथाकारान गोंयच्या वंयेक बांदून दवरिल्लें कथेचें दावें सोडून तिका हात-पांय मेकळे करपाक मळार चरूक सोडल्या. संवसारांतल्या हेर भासांतल्या साहित्याचे संस्कार तांच्या साहित्याचेर जाल्यात आनी देखुनूच तांची कोंकणी कथा संवसारीक कथच्या पंक्तीक बसता".[15]

एकाद्री कथा एका विशिश्ट समाजा कडेन वा वाठारा कडेन बांदिल्ले कथेक आपलें अशें खाशेलें सामाजीक-संस्कृतीक चित्रण आसताच. पूण कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्याचो विचार केलो जाल्यार तांच्या चडशा वा म्हणुया खूबशा कथांक सामाजीक-संस्कृतीक फांटभूय ना. देख घेवपा सारकी जाल्यार 'व्हंकल पावणी' ही कथा. जी विंगड विंगड जातीं मदल्या लग्नाची आनी तशेंच विंगड विंगड जाती आनी प्रथां मदीं (Inter-caste marriage and Inter-regional caste marriage) आदारीत आसा. चंद्रकांत केणींनी कुटुंबीक जिणेचेर भावनात्मक तरेन रंगयिल्ली ही कथा आसा. कथा जरी अंतरजातीय वा अंतरप्रांतीय जाती मदल्या लग्नाच्या फुडाराचेर आदारीत आसली तरी कथेंत कथापात्रांक नांवां नात. पात्रां 'ताणे', 'तिणे', 'तो', 'ती', 'चलो', 'सून' सारक्या नांवांनी कथेंत उबीं रावतात. जेन्ना कथेंत कथेंतलें एक पात्र आपल्या नांवा विशीं उलयता तेन्ना कथाकार चंद्रकांत केणी अशें सांगतात, "ताचें नांव कितें हें सांगपाक इल्लें अडचणीचें ...... दर एका नांवाकडेन एक आकृती बांदिल्ली आसता. केन्ना त्या नांवाच्या अर्थाक लागून जाल्यार केन्ना नांव धारण करतल्या मनशाचे संवकळीक लागून ..... ". तशेंच खंयच्या वाठारांत हीं कथा घडटा हें कळना. तशेंच कथेंत अंतरजातीय आनी अंतरप्रांतीय वाठार खंयचो हें सांगपाक

जायना. तरी कथा घडणुकेंतल्यानूच घडटा आनी मुखार वता. इतिहासांत लेगीत असल्या तरांचीं लग्नां मेळटात. सगळ्या समाजांत असल्या तरांचीं लग्नां जातात आनी फुडाराक लेगीत जायत रावतलीं हातूंत दुबाव ना, हीं असलीं लग्नां सांबाळपाक खूब गरजेचीं थारतात. कारण असलीं लग्नांच भोव त्रासदिणीं थारतात. देखून कुटुंबीक नदरेंत सांबाळपाक भोव गरजेचें. कारण हे कथेंत जेन्ना नायक म्हळ्यार 'तो' नायिका म्हळ्यार 'ती' हांचे त्रास पळोवन 'तो' सांगता, 'चल आमी वेगळें बिराड करुंया'. तेन्ना 'ती'चीं वाक्यां म्हत्वाचीं थारतात. ती म्हणटा, "प्रस्न म्हज्या सुखाचो न्हय... विंगड विंगड जातीं मदल्या लग्नांच्या फुडाराचो".[16] आनी भोव त्रास काडून तीं आपलें अंतरजातीय लग्न वाडयतात.

ही कथा खंयच्या वाठारांत, खंयच्या समाजांत वा खंयच्या धर्मांत वा काळांत वा खंयच्या प्रातांत आनी जाती मंदी ती घडटा हें सांगपाक जायना तरी दर एका युगांत वा दर एका शतकांत वा दर एका दिसा खंयच्या ना खंयच्या समाजांत वा वाठारांत आसले तरेचें लग्न जाता. पूण हें लग्न कुटुंबीक नदरेंत साबाळपाक जाय.

जेन्ना एकाद्रो रचनाकर एकाद्री रचना करता तेन्ना तातूंत तो आपलें भावविश्व तयार करता आनी जेन्ना ती रचना वाचक वाचता तेन्ना तो वाचपी ते रचने कडेन एकरूप जावंक पावलो जाल्यार, ताचें कारण म्हणल्यार रचनाकर आपले रचनेंतल्यान पात्राच्या मध्यमांतल्यान आपलो कथा संवसार तयार करता. जेन्ना ती कथा वाचप्याक आपली अशी दिसता तेन्ना ती कथा सर्वत्रीक जावपाक पावता. ह्या संबंदान रवीन्द्र केळेकार म्हणटात, "खरो कथाकार कोण? जाका आपल्या पात्रांचीं दुख्खां समजतात, तांचे भाशेन जो येवजिता. तांचें वरी जो फणफणटा. *The story writer must be profoundly interested in his fellow creatures. He must have the gift of empathy which enable him to step into their shoes, think their thoughts and feel their feelings.*"[17]

'आमलो तोर' सारकी कथा जेन्ना वाचता तेन्ना दिसून येता की दर समाजांत वा खंयच्याय देश, काळ वा वेळार जगपी मनीस हो आपणाक आपले भोंवतणी बांदून दवरता, केन्ना संस्कृती खातीर तर केन्ना प्रतिश्ठे खातीर. देखून पावला कणकणी ताका मन मारून

जगचें पडटा. आनी केन्ना ताका ही मर्यादा तोडून उडोवची दिसता. पूण तो तें करपाक शकना हें कथाकार चंद्रकांत केणी 'आमले तोर' हे कथेंत दाखयतात.

बरोवपी जेन्ना आपल्या अणभवां कडेन प्रामाणीक रावून बरयता तेन्ना ताच्या बरोवपाक निजपण येता. 'आमले तोर' ही कथा 'आपोल फळ' म्हूण बरयिल्ली आनी ह्या फळांच्या भोंवतणी जर ते कथेचें वातावरण आयलें म्हूण ती कथा वेगळी दिसची ना. कारण संवसारीकताय ही कथेची बसका जाता. जर हीच कथा 'आमले तोर' बदला 'द्राक्षांचो घोस' वा 'आपोल फळ' म्हूण बसका दिवन त्याच वातावरणांत कांयच बदल जावचो ना. ते कथेचो प्रभाव हेर भाशेंतल्या वाचकांच्या मनाचेर ते तरेन पडटालो जे तरेन कोंकणी वाचप्याच्या मनाचेर जाता. देखून संवसारीकताय हें हे कथेचें वैशिश्ट्य अशें मानपाक जाता. 1975 वर्सा संग्रहीत जाल्ली ही कथा आयज लेगीत जेन्ना ती कथा वाचता तेन्ना ती नवीच कशी दिसता आनी ही कथा कांय काळा उपरांत जर कोण वाचीत जाल्यार तितलीच नवी कथा ताका दिसतली. देखून ती कथा काळा पेल्यान जायना.

ह्या संबंदान उलयता आसतना डॉ. किरण बुडकुले आपलें मत व्यक्त करतना म्हणटा, "अमळींतल्यो बऱ्योच कथा अश्यो आसात. वाचप्यांक तातूंत तादात्म्य पावंक आवडटा. खरें म्हणल्यार तो 'नकळटां' कथाविश्वा वांगडा एकरूप जावन वतात. ह्या संदरभांतली रवीन्द्रबाबांची टिप्पणी लक्षांत घेसारकी आसा. तें म्हणटात, ........ 'आमले तोर' ही कथा वाचली आनी तातूंत म्हाका कथाकाराचें एक म्हत्वाचें आंग दिश्टी पडलें. हे कथेंत हांवें म्हाकाच पळेयलो.... हे कथेंतलो 'हांव' खासा चंद्रकांतबाब आसूं येतोत. हांवूय आसूं येता आनी म्हजो समज आसा जो ती वाचतलो तोच आसूं येता."[18]

ह्या स्वरुपाची एक कथा म्हळ्यार 'अबुध्द मोग'. हे कथेंत दोन पात्रां आसात. दोगांय जुवानपणाच्या हुमऱ्यार उबीं आशिल्लीं. चौदा वर्सांचे जायू आनी इकरा वर्सांचो देवू. मनीस प्रकृती सभावाक लागून एकमेका विशीं ओड वा आकर्शण दिसता. पूण ही ओड वा आकर्शणा विशीं तीं अबुध्द आसात वा तें ताका सारकें कळना आनी उतरांतल्यान सांगुकूय येना. तांचे करणेंतल्यान तांच्या मनांतल्यो भावना कथेंत उकत्यो जातात. आनी हो कथेचो विशय आसा. कथेचें वातावरण म्हळ्यार रानांतल्या एकांतात तीं जायू आनी देवू सांगातात

भोंवतात, खेळटात आनी तें परिस्थितींत तीं कांय गजली करतात. अशे तरेन कवळ्या जुवानपणाची जाग अज्ञानाच्या विळख्यांतल्यान जेन्ना भायर सरूक सोदता तेन्ना जें कितें घडटा ती कथेची फाटभूंय आसा. सगळ्या देशांनी वा शारांनीच न्हय तर दर एका मनशाचे जिणेंत ही अवस्था येता. डॉ. अरूणोयदय भाट्टचार्य हांच्या उतरांनी सांगपाचें जाल्यार, "*Adolescence is, however a passing phase in human life, it delicacy uncertainty and awkward embarrassment; its sentiment obsession and over idealization, its disproportionate emotions of thrill, beauty, hope on the one hand and grief and despair on the other, …..".*[19] कारण दर एक मनीस जुवानपणांतले परिस्थितींतल्यान वता आसतना ताचे आपले कांय खाशेले अणभव आसतात. देखून हे तांचे कथेच्या विशया विशीं उलयता आसतना पुंडली नायक म्हणटात, "……. रवीन्द्र केळेकार म्हणटा ते प्रमाण "कथेंतल्या पात्रांविशीं समभाव, 'empathy' दाखोवपाचें बरोवप्याचें कौशल्य" हें कथेच्या पात्रांतल्यान आमकां दिश्टी पडटा. फुडें पुंडलीक नायक म्हणटात, "लिओ टॉलस्टॉय, अर्नेस्ट हेमिंग्वे सारकिल्ले उत्तूंग प्रतिभेचे लेखक आपणाल्या साहित्यकृतींत किरकोळांतल्या किरकोळ पात्राविशीं लेगीत जो समभाव (empathy) दाखयता, ताचें अंशात्मक जायना पूण दर्शन चंद्रकांत केणी हांगेले कथेंत दिसून येता आनी वाचपी प्रभावीत जाता. 'अबुध्द मोग' ही बरोवप्याची एक गाजिल्ली कथा. पूण तिच्या कलात्मक गुणा परस विशया खातीरूच तिचेर अदीक चर्चा जाली. भुरगेपणांतल्या निरागस प्रेमाचें वर्णन करतना बरोवप्यान दोन बालव्यक्तिरेखा निर्माण केल्यात त्यो खूब प्रभावी थारल्यात."[20]

आपले हे कथे विशीं उलयता असतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "प्रकृती आनी पुरूश हांकां एकमेकाची दिसता ती ओड हें एक सनातन सत्य. संवसारातल्यो चडश्यो कथा ह्याच विशयांचेर आदारिल्ल्यो आसात. आयज मेरेन साबार देशांतल्या तरेकवार भासांतल्या कथाकारांनी प्रकृती आनी पुरूश हांचे संबंध होच आपल्या कथांचो विशय दवरलो. अशें आसुनूय त्यो कथा आदलेवरीच आयज लेगीत वाचप्यांक भाळयतात. वाचपी त्या कथांतल्यान आपल्या अंतर्मनाचें पडबिंब सोदतात."[21]

घटस्फोट वा लग्नमोडा उपरांत कोर्टान दिल्ल्या निर्णया प्रमाण चली कांय दिसां खातीर बापायसरी रावपाक येता आनी सुटी आनी कोर्टाची मुदत सोपोवन ती चली परती आपल्या आवयसरी वचपाचो वेळ लागी पावता तेन्ना ताच्या बापायच्या काळजाची जी अवतिकाय जाता, ती 'ओलीं पाखां' हातूंत येता. कथाकारान ती इतले सोबीत तरेन मांडल्या ती देश, काळ वा वेळ हांकां बांदून रावना, कित्याक तर दर एका समाजांत लग्नमोड ही जाताच. ताचो परिणाम कथेंत दिसता.

'आमचे मदली ती' ही कथा मनशाच्या दुबावाचे प्रवृतीचेर आदारीत आसा. मनशाक दुबाव आसप म्हळ्यार सैमीक गूण. सगळ्या समाजांतल्या मनशां मदीं तो आसता. दुबाव ह्या मनशाच्या सैमीक गुणांक लागून कथाकार पुराय कथा घडयता. नायकाच्या आंगाचेर पडिल्ले स्वातिचो केंस पळोवन ताची बायल नायकाचेर दुबावता आनी कथा मुखार ह्या दुबावाचेर उबी जाता. बायल मनशेचो दुबाव कितलो खर आसूं येता आनी त्या दुबावाक लागून कितें कितें दुश्परिणाम जावं येतात हे कथेंत दिसता.

तशेंच कथाकार चंद्रकांत केणींची 'नातें रगताचें' ही सार्वत्रीक भावपणाचें आनी मनीसपणाचें नातें दाखोवपी कथा आसा. कथा नायक 'सदा', सदाचो इश्ट पुंडलीक, ताची बायल गौरी. ती सभावान बरी. पूण तिची कूस फळूंक ना. देवूय कितलो दुश्ट. तो एक हातांत दिता आनी दुसऱ्या हातान नागयता अशें सदाक तिका पळेतकच दिसता. गौरीक काळजाचें दुयेंस जालें ताचें ऑपरेशन करतना रगत जाय पडटा. त्या ग्रुपाचें रगत दिवपाक लकप्पा हो घाटी आपखोशयेन तयार जावन सदा वांगडा येता. गौरीचो घोव पुंडलीक घाटयाचें रगत घेवपाक तयार जायना, तेन्ना लकप्पा म्हणटा, साब, "रगत एकच आसता". शाण्याचें, पिशाचें, घाणींतल्या मनशाचें आनी सुंदर मनशाचें लेगीत रगत एकूच आसता. फुडें तो म्हणटा, "आपली चली मोटारीपोंदा पडून हॉस्पिटलांत व्हेली तेन्ना ती रगता खातीर मेली. आयज रगत दिवन आपले चलयेक वाचयल्याचो आनंद जालो". हे कथे विशीं सांगता आसताना प्रा. उल्हास पै भाटीकार म्हणटात, ".... (हे कथेंत) केदें व्हडलें 'universal truth आनी brotherhood' कथाकार दाखता."[22]

संवसारांत जीं म्हाझुजां जालीं ताचो प्रभाव हो सगळ्या देशांचेर मनीसजातीच्या सगळ्या कुळांचेर, सभ्यतायेचेर आनी संस्कृतीचेर जाता. हें 'धर्तरी अजून जियेताल'' हे कथेंतल्यान कथाकार सांगतात. हे कथेंत कथाकार एक प्रश्न विचारता, "पूण हीं झुजां, ह्यो लडायो जातात तरी कित्यीक?" कथाकार चंद्रकांत केणी जें विचार हे कथेंत म्हाझुजाच्या परिणामांच्या चित्रांतल्यान दितात हेच सुवास सारकार आपल्या 'poetry of the two world wars' हातूंत (निबंद) बरयतात.[23] तरी म्हाझुजाच्या परिणामाक लागून मनशाची सभ्यताय आनी संस्कृती नवे तरेन धर्तरेर जगोवपाचो प्रयत्न कथाकार करता.

'धर्तरी अजून जियेताली' हे कथेंत मार्टीन आपली काणी सांगता खरो, म्हळ्यार ही काणी आसा दोन म्हाझुजांची, मनीस जातीच्या बऱ्या भल्या खातीर चलिल्ल्या म्हाझुजाची. ही काणी पाचव्याचार झाडां-झोंपांची, सवण्यांच्या काव्यगायनांची, खळखळट्या झरींची, धनगराच्याय तोंडांत वेद घोळोवपी लोकवेदांचो आनी मनशाच्या जियेवपाचे संदेश भावनेचे प्रेरणेचो आनी हावेसांचो जो म्हाझुजाक लागून एका खिणांत गोबर जाता, तरी समाजांतले मनीस नवे प्रेरणेचे आशेन परत जियेवपाचो प्रयत्न करतात. नव्यान जियेवपाक आशेची प्रेरणा हो विशय सर्वत्रीक थारता.

तसो हो म्हाझुजाचो विशय राष्ट्रीय न्हय तर आंतराष्ट्रीय पांवड्या वयलो आसा. देखून नागेश करमली कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा संबंदीत उलयता आसतना म्हणटात, "तांणी कोंकणी कथा राष्ट्रीयच न्हय तर संवसारीक पांवड्यारूय पावयली."[24]

कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो अशो कितल्योशोच कथा आसात तांच्यो देखी दिवपाक शकतात. तांच्या कथांचो पांवडो संवसारीक आसा वा तो संवसारीक जाता, अशें दाखोवपाक येता. पूण हांगा मोजक्याच कथांच्या आदराचेर तो मांडपाचो प्रयत्न केला.

## कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंत आयिल्ली अस्तुरी.

सृश्टीच्या आरंभा सावन सृश्टीचें निर्माण करपा मेरेन अस्तुरेची म्हत्वपूर्ण भुमिका आसा. मनीस जातीची सभ्यताय आनी संस्कृतीच्या विकासाचें मूळ आधार पुरूश आनी अस्तुरी आसा अशें मानतात. नर आनी अस्तुरी ही सृश्टिची दोन मुलभूत तत्वां आसात.

दोनांच्या सहयोगान सृजनात्मक शक्ते खातीर गृहसंस्थाचो जल्म जालो आनी परिवार आनी समाजाचो विकास जालो. सृश्टीची रचनाच पुरूशाचे तुळेंत अस्तुरीचें योगदान चड व्हड आसता. गर्भधारणे सावन बाळकाचो जल्म तशेंच ताचें पालन पोशण करपाच्या कार्यांत अस्तुरेक आदर मानतात. अस्तुरी आनी पुरूश एक दुसऱ्या पसून वेगळावपाक शकना. हे विशीं सांगता आसतना अमर नाथ प्रसाद म्हणटात, *"As a matter of fact, both men and women are the essential parts of creation. Both are the two sides of the same coin. A man's life without a woman is just like flower without fragrance, a ship without a rudder or body without spirit."*[25] अर्थात एकाच नाण्याच्यो दोन बाजू आशिल्ले वरी बायल आनी दादलो सैमान निर्मिल्ल्या ह्या संवसारांतलो म्हत्वाचो वांटो. दादल्याची जीण अस्तुरी बगर म्हळ्यार परमळा बगर फूल जाल्यार सुकाण्या बगर तारूं आनी आत्म्या बगर शरीर अशें आशिल्लेवरी दिसतलें.

पुरूश आनी अस्तुरी हे दोन म्हत्वाचें घटक आसलें तरी लेगीत अस्तुरी ही वात्सल्य, स्नेह, दया, माया, असल्या गुणांत परिपूर्ण आसता. समाजांतले हे दोन म्हत्वाचे घटक म्हळ्यार पुरूश हो समाजांत प्रथम स्थान आनी ताच्या फाटल्यान अस्तुरी स्थान घेता.

साहित्य हो समाजाचो हारसो आशिल्ल्या कारणान अस्तुरी साहित्यांत विंगड विंगड तरेन दिसपाक लागता. साहित्यांत पडबिंबीत जावपी अस्तुरी ही कशा स्वरुपांत साहित्यांत येता, हे विशीं डॉ. यशोदरा भट म्हणटात, *"the image of the woman in the literature emerg's out of the existing world. it also exists in the mind and imagination of the writer".*[26]

हे विशीं उलयता आसतना डॉ. जयंती नायक म्हणटात, "पुरूशप्रधान संस्कृताय ही आयज संवसारभर प्रभाव घालून आशिल्ली संस्कृताय. हे संकृतायेंत बायलेक दुय्यम लेखल्या, उणाक मानल्या आनी तिचे शक्तीचें खच्चिकरण केलां. हे भावने फाटल्यान साबार वर्सां साकून बायल उद्धाराचें कार्य संवसारीक मळाचेर चलता".[27] आर्थात साहित्यांत जी अस्तुरी पडबिंबीत जाता ती वास्तवांत समाजांतल्या साहित्यांत आयिल्ली आसता. तशेंच ती बरोवप्याच्या विचारांतल्यान आनी कल्पनेंतल्यान आकार घेवन साहित्यांत येता.

समाजांतले अस्तुरी विशीं उलयता आसतना डॉ. माधवी सरदेसाय म्हणटात, *"one is not born, but rather becomes a women.* हें सामकें खरें. बायल-मनीस घडोवपाचे कारखाने सगळ्या संस्कृतायांनी चलतात."[28] ती कशी हाची जाप डॉ. य के. शर्मा दितात, "एके चलये कडसून हीं अपेक्षा केल्ली आसता की तिणें संकुचीत भान दवरून तोंड बंद दवरूंक जाय, लज्जाशक्ती, सहजनशील तशेंच केन्ना कांयच न मागपा सारकी आसूंक जाय".[29]

साहित्यांत आयिल्ली अस्तुरी ही खूब व्यापक तरेन साहित्यांत येता आनी विंगड विंगड तरांनी ताजेर जाणकारांनी भासाभास केल्ली आसा. जेन्ना समाजांत आनी संस्कृतींत वेगवेगळ्या कारणांक लागून अस्तुरी आनी पुरूश हांचें मदी भेद जावपाक लागलो तेन्ना साहित्यांत लेगीत अस्तुरी ही भासाभास करपाचो विशय जावपाक लागलो. तातूंत स्त्रीवाद म्हळ्यार फेमिनिजम जल्माक आयलो. चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत दिसपी अस्तुरी फेमिनिस्ट विचाराची अशें कांय जाणकारांचें मत आसा.[30] पूण कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंतले अस्तुरी मदलें फेमिनिजम वा दिसपी फेमिनिस्ट विचार हो हांगा अभ्यासाचो विशय न्हय. पूण तांच्या कथा साहित्यांत दिसपी वा आयिल्ल्यो तरेकवार अस्तुरी हो हांगा अभ्यासाचो विशय आसा.

चंद्रकांत केणींच्या चडशा कथांतलें कथानक हें अस्तुरी पात्रांच्या भोंवतणी घडून कथा उबी जाता, देखून कांय कथाकार चंद्रकांत केणींची कथा ही अस्तुरी प्रधान आसता अशें मानतात.

आपल्या ह्या कथांनी येवपी अस्तुरी विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "आमचो चडसो संबंद बायल मनशे कडेन येता, आवय, आजी, भयण, बायल खंयच्याय रुपान जावं मागीर. आमचो समाजच बायल मनशे भोंवतणी विणला. ते भायर ह्या समाजांत चड पिडीत आसा ती बायल मनीस. म्हणून जावंयें जगांतलें सगळें साहित्य बायल मनशे भोंवतणी घुंवता, तशेंच म्हजेंय साहित्य चडशें बायल मनशे भोंवतणी घुवंता".[31]

तांच्यो चडश्यो कथा ह्यो उच्च मध्यम वर्गीय समाजांतल्यो आसात. तशेंच तातूंत शारी जीण आसता. आनी तातूंतल्यो नायिका फॅशनेबल आसतात. आनी ताचें चित्र काडटा

आसतना चंद्रकांत केणी फॉर्मात येतात. तांच्या नायिकांचें कांय चित्रण देखीक घेवपाक जाता.

'पोस्ट मॉर्टेम' हें कथेंतली मिनाक्षी: "ना जाल्यार चार चौगांत ती नदरेंत भरपाचीच. गंवा रंगाची गोरसाण आनी कोरीव शिल्पावरी आंगलोट. नांवावरी चकचकीत दोळे...... हांसतना गालाक खळयो पडटाल्यो आनी धवे फुल्ल दांत ल्हायांवरी चकचकताले. फुडल्यान घेतिल्ली लांब केंसाची फांती तिचें छातयेवेल्यान जमनीर पाविल्ली. ......"[32]

'रीना जोझेफ' हें कथेंतलीं रीना: "रीनाची पिराय बत्तीस वर्सांची आसुंये. घडये दोन वर्सां चडच. रंगान काळी. पूण काळी बायलय सुंदर आसूं येता म्हणून बोट दाखोवपासारकी. तोंडाचेर एके तरेची टवटवीतसाण. हांव तिका पळेतना ती ओठाचेर मंद हांसो फुलोवन संकोच करिनासतना बशिल्ली. तिणें वापरिल्ल्या सेंटाचो मंद परमळ पातळिल्लो. गुलाबी साडी आनी गाढ गुलाबी ब्लावज. केंस फाटल्यान बांदिल्ले. कपलाक गुलाबी तिकली".[33]

तांचे कथेंतल्यान येवपी समाज हो मध्यमवर्गी समाज आसा, तशेंच तातूंत शारी जीण दिसता आनी नायिका ही चड फॅशनेबल आसता. पूण दर एक सारक्यो त्यो नायिका दिसनात. देखून तांच्या नायिकांनी लेगीत विविधताय दिसून येता.

कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंत येवपी अस्तुरी ही चडशी वयांत तीस पस्तीस हुपून गेल्ली अशी आसता. हे विशीं सांगता आसताना दामोदर मावजे सांगतात, "केणी बाबाच्यो चडशो नायिका पिरायेन मध्यम. घडये हे पिरायेचेर संभाशण उक्तेपणान करप सोंपें जाता वा खासगी गजली सांगतना लजभीड आड येना म्हुणून जावंये. चडश्यो बायलो दिसपाक सुंदर आंगलोटीन रेखीव आनी पुरूशत्वाक आव्हान दिवपी".[34]

तांच्या 'धर्तरी अजून जियेताली', 'अळमी' वा 'व्हंकल पावणी' सारक्या कथासंग्रहांनी दिसपी अस्तुरीचो विचार केलो जाल्यार तातूंत विंगड विंगड तरांच्यो अस्तुऱ्यो दिश्टी पडटात. देखीक - रीना जोझोफ (रीना जोझोफ), मिस् डायना डिसूझा (मिस् डायना डिसूझा), लुसी (लुसी), गुलाब (गुलाब), कस्तुरें (अणभव), वीणा (किळांच), मुर्गी (किस्सा मुर्गीका), सुधा (अनोळखी), ती (व्हंकल पावणी), रेवती (आमचे मदली ती), आशा

(मेकळीक), गीता (गीता), धनगरी चली (धर्तरी अजून जियेताली), फुलकान्न, वांसती (फातरी पोंदची आंकरी), रुक्मीण (रुक्मीण), शीला (चीन पीक), लुसी (चम्पावतच्या डाक बंगल्यात) ह्या सारक्यो कांय अस्तुऱ्यो विविध रुपांनी येतात आनी ताचे दर एकलेचें आपलें अशें तत्वगिज्ञान दिश्टी पडटा.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत दिसपी अस्तुरी विविधताये विशीं उलयता आसतना डॉ. प्रकाश रमकांत वजरीकार आपल्या लेखांत बरयतात, “चंद्रकांत केणी हांच्या कथांनी बायलांचीं वेगवेगळीं रूपां दिसतात. केन्ना तीं वळखीचीं, केन्ना नवळखी, केन्ना हिप्पी चलयेच्या रुपान. केन्ना ही बायल सोंशीक, शृंगारीक, आव्हानां पेलपी, प्रचंड इच्छशक्त आशिल्ली. हे जिणेचो स्विकार करपी. केन्ना दुख्खान कोंसळपी अशी. पर्यटन सुवात म्हणून गोंयचें नांव संवसारभर पातळ्ळां. भोगवादी, स्वच्छंदवादी आनी एकांतवासी (एकमुळेपण न्हय) जगूंक सोदपी देशा भायल्या पर्यटकांचें तें भावविश्व, तांच्या जिविता विशींचें तत्वगिन्यान, तांची भोगविलासी तशेंच धीट वृत्ती, मातृत्व हे संकल्पने कडेन पळोवपाची तांची नदर, भारतीय दांभीक भोगवृत्ती, पलायनवादी नदर दाखयतना हिप्पी चलये कडेन पळोवपाची एक वेगळी नदर चंद्रकांक केणी हांणी दिल्या. चंद्रकांत केणी हांची कथा ही ‘चंद्रकांती’ कथा अशें पुंडलीक नायक हांचें मत.[35]

तांचे कथेंत अस्तुरेची विविधताय पळोवपाक मेळटा. ‘बंदिनी’ हें कथेंत अस्तुरी एका वेगळ्या स्वरुपांत दिसता. अस्तुरेक पुरूशवर्ग आपल्या हाताखाला दवरपाक सोदता. तिचेर केल्ले अत्याचार, अन्याय ती गाये भशेन ओगी सोंसता आनी ती तें सगळें स्विकार करता. कथेंतल्या नायकाक ही अस्तुरी ह्या बंदीवादांतल्यान भायर काडचो प्रयत्न करता पूण ती आपूण जावन थंय सावन भायर सरपाक सोदिना. ह्या कथां विशीं उलयात आसतना रवीन्द्र केळेकार म्हणटात, “ही *gift of empathy* म्हाका ह्या कथाकारांत खोलायेन दिश्टी पडली ती ताचे ‘बंदिनी’ कथेंत. ‘तिचेर’ तो मोग करिना. तिचे सुंदकायेचेर तो भाळूंक ना. ताका ती वैभवांत लेगीत शेणिल्ली दिसल्या. देखून तो तिका सांगता, “चल, म्हजे बरोबर यो ..... म्हगेर यो. तूं सांगशीत त्या नात्यान राव ...... मित्र म्हणून वा भाव म्हणून हांव तुजो सांबाळ

करीन” पात्रां विशीं पुराय ‘समभाव’ empathy दिसले बगर हीं उतरांच तोंडांतल्यान भायर सरचीं नाशिल्लीं”[36] तरी ‘ती’ कांय उलयनासतना उबी रावता.

ही जेन्ना कथा वाचता तेन्ना ईश्वरचन्द्र विद्यासागर हांची याद जाता. ते एके कडेन म्हणटात, “जो मेरेन अस्तुरी आपल्या हिताच्या रक्षणा खातीर आपूण स्वता उबी रावना तो मेरेन अस्तुरेक जागतीक समर्थन मेळचें ना”.[37] हे कथेंत कथाकार चंद्रकांत केणी तेच सांगपाक सोदतात. ते कथेंत बरयतात की, “पूण अजून म्हाका समजना, खंयचे पास तुका थंय बांदून दवरता ते! थंयचे एकेय वस्तूकडेन तुजो काडयेचोय संबंद ना. समाजांत निंदा जातली म्हणून तूं थंय रावता अशें म्हाका दिसना. तूं गेल्यार विनायकबाब अदीक स्वैर जातलो म्हणपाचो तुका भंय दिसता ? काय लग्नाचें बंदन तुका लक्ष्मणरेशा जाल्या ? ..... जिणेच्या एकांतांत हांव तुजें कुवाडें सोडवपाचो यत्न करतां. पूण तूं उलयलेबगर तें कशें सुटत ?”.[38]

जाणटे पिरायेंत नवोच संवसार थाटपाक फुडें सरून वेगळें बिराड करून नव्यान जीण जियेवपाची इत्सा बाळगुवपी ‘ती’. ‘ती’णें जाती भायर लग्न करून नव्या संवसाराक आरंभ केलो तेन्ना ‘ताच्या’ आवय बापायक सांबाळून घेवन आदर्श संवसाराचें सपन पुराय करतना चाटपेटवल्यान खास्ती खाल्यो. कारण तिच्याच उतरांनी सांगप म्हळ्यार, “प्रस्न म्हज्या सुखाचो न्हय .... विंगड जातीं मदल्या लग्नांच्या फुडाराचो”. हें कथेंत तिका आपली जीण आपणांक जाय तशी जियेवंक मेळ्ळी ना ही खंत. पूण संवसाराची वाट चलतां चलतां ती म्हातारी जाली. आनी अशेंच तांचो चलो एक दीस मोगांत पडून लग्न जाता. तेन्ना ती वेगळी बिराड करपाचें थारायता. शेणिल्ली जीण सोदून काडून नव्यान जियेवपाचें सपन ती पळेयता. पूण अव्यक्तपणान ती आपूण जियेल्ली जीण आपल्या पुताक आनी सुनेक दिवपाक सोदिना. हातूंत कथेंत ‘ती’च्या माध्यमांतल्यान कथाकार अशें दाखोवपाक सोदता की एकाद्र्या कुटुंबांत ‘*free of love*’ हो विचार मेळना. कथेंत ती हो विचार व्यक्त करता. ती निमाणे कडेन म्हणटा, “निमाणें तिणें आंयणो घोटलो. पदरान आपले न्हय, तर सुनेचे दोळे पुसले आनी म्हळें, “बाय, इतलीं वर्सां आमच्या लग्नाक जालीं, पूण आमी घोव-बायल कशीं एकय दीस रावलीं नात, आमी तशीं रावंक वतात... तुमकांय त्या नात्यान रावंक मेळचें म्हुणून वतात हें तिणें सांगले ना.”[39]

'मेकळीक' कथेंत वाडिल्ल्या बत्तीस वर्साच्या आशाक दर दिसा आवयची नदर विवस्त्र करता आनी आवयेचे नदरेंतल्या सुळ्यांतल्यान मेकळीक घेवपा खातीर बिझनेसांतल्या अनोळखी वामनाक लाचार जावन दुसऱ्यापणाक लग्न जावपाक हयकार दिवंचो पडटा. कथा सादी, ल्हानशी पूण वाडिल्ले चलयेच्या अगतीपणाचो विचार कथाकार मांडटा. कितें शिकलें वा कामाक आसलें लेगीत जाल्यार लग्न जावंक जाय असो समाज मानता. पूण हे विचार करपाची स्वंतत्र अस्तुरी आसपाक जाय काय ना असो विचार कथाकार चंद्रकांत केणी मांडटात.

'फुलकान्न' ही कथा 'भूंयचाफीं' ह्या संपादीत कथा संग्रहांत आस्पावीत जाल्या. उपरांत ती 'धर्तरी अजून जियेताली' ह्या संग्रहांत संग्रहीत जाली. 'फुलकान्न' कथेंतले फुलकान्नीचो आवाज घांटीवरी कणकणटा. फुलावरीच नाजूक हे फुलकान्नाचें तिचें अशें खेशेलें गिरायक आसा. तशेंच तिका हाक्काचें दिवाळेचें न्हेसण. सणासुदीक हक्काचें पान आसा. पार्वती मावशी हें तिचें आगळें गिरायक आसा. पार्वती मावशी फुलकान्नीक साडी घेता हें पळोवन तिका घोवा कडल्यान नाका तें आयकून घेवचें पडटा. उपरांत तो फुलकान्नीचेर आपलो राग काडटा. आनी तिकां पयलेच फावटी फुलांचे पयशें विचारता. ती म्हण्टात, "पैशाचो हिशोब म्हाका कित्याक धनयानू? म्हाका आणोय सारको आनी रुपयोय सारको!" अशी जाप दिता. मात दिवाळे दिसाक ती फुलाकान्न जेन्ना सदचे परस दोट्टी पुड्याकूय आणोच म्हूण सांगता (तेन्ना फुला खूब म्हारग आसली) तेन्ना पार्वती मावशेचो घोव अजापभरीत जाता. दिवाळेची परबी म्हूण तोच तिका साडी दिता. ह्या वेळार ताणें फुलाकान्नीक केल्लो प्रस्न आनी तिणें दिल्ली जाप हातूंत फुलकान्नीचें वेगळें तत्वज्ञान दिसता, "म्हाका पयशांचो हिशोब कितें करच्याक धनयानूं? म्हाका आणो कितें आनी रुपयो कितें, धनयाचीच कुरपा सगळी!".[40]

'चम्पावतच्या डाक बगल्यांत' हातूंत भोंवडेर गेल्ल्या वेळार चंपावतीक बस उरता. ती सांजवेळ आनी रात थंयच्या डाक बंगल्यात कथाकाराक सारची पडटा - ताच्या वांगडा एक स्विडीश बायल आसली. ते बायलेन आनी कथाकारान त्या डाक बंगल्यात एक रात सारिल्ली तिचेर आदारीत ही कथा आसा. ताका वळख, विचार - पाचार कांय नासतना

इतलेंच न्हय तर थंय मेकळीक घेता पूण तरी आसतना कथाकार भायर ऑल्तेरार वचून न्हिदता. हे स्विडीश चलयेचें एक वेगळें तत्वज्ञान आसा तें कथाकार सांगता. तें अशें आसा, "...बायलांक - दादल्यांक पुराय स्वांतत्र्य आसता. घोवाची याद आयली जाल्यार घोवा म्हऱ्यांत वच. मित्राची याद आयली मित्रागेर वच ..... उबगण आयल्या तांकां सोड नवे मित्र जोड. नवें घोव कर ...."[41] हे कथाकार ते स्विडीश चलयेच्या माध्यमांतल्यान पाश्चात्य देशांतले अस्तुरेचे विचार दिता.

'रीना जोझेफ' ही अस्तुरी आपलो घोव आनी भुरगें म्हळ्यार आपल्या कुंटुबाक पोंसता. परदेशांत रावन आयिल्ली रीना जोझेफ आपल्या कुटुंबाचे अर्थीक परिस्थितीक लागून आपली कूड विकून पयशे जोडटा. पूण तातूंत लेगीत तिचो आपलो दृश्टिकोण आसा. जेन्ना कथेंत नायक तिका शंबर रुपयाची नोट दिता तेन्ना ती जी जाप दिता तातूंत तिचें प्रमाणीकपण दिसून येता. ती अशें सांगता, "तुवें तुजें सभ्यपण सांबाळपा खातीर म्हजें चरित्र्य पावणेर काडलें. पूण तुकां कांयच दिलेबगर तुजे पयशे हांव कशें घेवं? हांवें तुका ह्या आदींच सांगलां म्हाका काकुळटेची भीक नाका, म्हज्या वावराचें मोल जाय."[42]

हे कथेंत अस्तुरेचें एक वेगळें रूप पळोवपाक मेळटा. 'रीना जोझेफ' हातूंत रीना जोझेफ घोवाचो आनी भुरग्याचो सांबाळ करपा खातीर हो धंदो करता. वेश्येच्या भोगी वेवसायांत वेश्या ही परिस्थिती आनी अन्यायाक बळी पडून जाता हें रीना जोझेफ हे अस्तुरेच्या माध्यमांतल्यान दाखयता.

'अनोळखी' कथेंतूच भंगिल्लो मोग परतून सादूंक शकना हें सुधा ही अस्तुरी दाखयता. पन्नास वर्सां उपरांत सुधाक शंकर मेळटा पूण ती एकमेकाक वळखून लेगीत आपूण अनवळखी रावतात. कारण सुधाक आपली मूर्त जी शंकराच्या काळजांत आसा ती तशीच दवरपाची आसता.

भारती संसकृताय ही आपले परीन वेगळी आनी खाशेली अशी. तिचीं आपलीं कांय मुल्यां आनी मानदंड आसात. तातूंत एक म्हळ्यार कुटुंब व्यवस्थेंत 'लग्न'. पूण 'खंत ना खेद ना' हे कथेंत कथाकार सुलक्षाच्या माध्यमांतल्यान एक नवीं अस्तुरी दाखयता, ही त्या

समाजाचें प्रतिनिधित्व करता जी वर्तमान शिक्षा, दिक्षा, विज्ञानीक प्रगती आनी उद्योगीकरणाक लागून परिवर्तन जावन नवी मुल्यां आपणायता. देखून लग्ना सारके संस्कृतीक व्यवस्थे विशीं उलयता आसतना, लग्ना सारके संस्कार एक बेडी मानता. आनी मुखार अशें म्हणटा, “ते बंधन.. समाजान निर्मिल्ली ती बेडी.. ती नाका म्हुणूनच तर हांवें सुनिलाक सोडलो .....”.[43]

चंद्रकांत केणींचे कथेंत दिसपी अस्तुरीची संख्या व्हड आसा. देखून कांय मोजक्याच अस्तुरेंच्या आदाराचेर तांच्या कथांनी दिसपी अस्तुरीचेर विचार. ताचे अस्तुरी विशीं उलयता आसतना हनुमंत चोपडेकार म्हणटात, “अस्तुरी ही समाजाच्या आनी कुटुंबाच्या केंद्रस्थानार आशिल्ल्यान तिच्या सामाजीक, मानसीक आनी बौध्दीक अवस्थेचो तपशील हांगा आयला. दादल्या परस तिच्या वांट्याक चड दुख्ख आयलां देखून हळुवारपणान तिचेर फुंकर मारपाचो यत्न ह्या कथाझेल्यांत जाला. आत्मसन्मनान जगपाचो अधिकार चंद्रकांत केणींच्यो स्त्री व्यक्तिरेखा राखून दवरता आनी तीं स्वभिमानान जगता”.[44]

योगिनी आचार्य अस्तुरी विशीं उलयता आसतना अशें म्हणटात, “प्रत्येक अस्तुरेक तांणी वेगळे तरेन वाचका मुखार दवरल्या. तांच्या बारीक गजालींचें आनी हालचालींचें वर्णन ते करतात. तांची शैली इतली प्रभावी की ती अस्तुरी दोळ्यां मुखार उबी रावले बगर रावना”.[45]

**<u>कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा प्रयोगांत - कथा रचना.</u>**

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्याच्या मळाचेर विंगड विंगड प्रयोग केल्ले आसात, तातूंत ‘कथिका’ आनी ‘कणलां’. कोंकणी देवनागरी कथेंच्या मळार कथाकार चंद्रकांत केणी आद्यकथाकार म्हूण पाचारतात. कोंकणी कथा संवसाराच्या पांवड्याचेर व्हरपाचो विशिश्ट वावर तांणी केल्लो आसा. कोंकणी कथा ही खंयच्याच पांवड्याचेर फाटी उरची न्हय देखून तांणी कोंकणी कथेंच्या मळार नवे प्रयोग केल्यात.

कोंकणी कथेंत नवी शैली, नवी अशी सादी आनी सरळ भास, नवे मंत्र, वांगडाच नवी निवेदनपद्दत आनी नवे विशय दिवपाचे यत्न तांणी केल्यात. ह्या सगळ्या वांगडा तांणी

कोंकणी कथेचे प्रिक्रियेंत तरेकवार केल्ले प्रयोग चड नदरेंत भरतात. हे प्रयोग दोन तरांनी दिसतात, पयलो 'structure' आनी दुसरो 'form'.

रचना म्हळ्यार इंग्लेज भाशेंत 'स्ट्रक्चर' जाता. 'structure' विशीं उलयता आसतना प्रा. कल्याणनाथ दत्ता म्हणटात, *"structuralism- this stand for the pattern or plan whatever this may,dominate how the structure of a work,.... structure is also related to the form of a literary work..."*[46]. स्ट्रक्चर म्हळ्यार बांदावळ. खंयच्याय कार्याची बांदावळ सादर करप तशेंच साहित्यीक कार्या संबंदीत आसप हाकाय स्ट्रक्चर अशें म्हणटात.

साहित्यांतल्या फॉर्मा विशीं उलयता आसतना Lan Milligun म्हणटात, *"it is the way in which the author has arraged his material..."*.[47] अर्थात बरोवपी जायते तरेन आपली सामग्री माणून रचना करता आनी दवरता ताका फॉर्म अशें म्हणटात.

तशें पळोवपाक गेल्यार कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेच्या मळार रचनात्मक पद्दतीन प्रयोगा केल्यात. आनी रचनात्मक पद्दतीन केल्ल्या ह्या प्रयोगांक लागून कोंकणी कथेक एक नवो आयाम मेळ्ळा.

कथाकार चंद्रकांत केणी हे व्हड वाचक आसले. तांणी हेर भाशांतल्यान साहित्य तशेंच हेर राष्ट्रीय आनी अंतराष्ट्रीय साहित्य वाचन केलें. ह्या वाचनांतल्यान तांणी संवसारांतल्या कथेंच्या मळार जे रचनात्मक प्रयोग समजून घेतले आनी कथेंत जे रचनात्मक पद्दतीचे प्रयोग समजून तांणी ते कोंकणी कथेंच्या मळार केले. कथाकार चंद्रकांत केणींचो विचार आसलो की संवसारीक मळार कथेंत रचनात्मक बांदावळीत जें प्रयोग जातात ते कोंकणी बरोवप्यांनी समजून घेवन असलो प्रयोग तांणी कोंकणी साहित्याच्या मळार करपाक जाय. तेन्नाच कोंकणी कथेचो दर्जो हेर संवसारीक कथां वांगडा येतलो.

ह्या संबंदात कथाकार चंद्रकांत केणी बरोवन दवरतात, "संवसारीक कथेंत कसले कसले बदल जावंक लागल्यात हें समजून घेवंचे खातीर कोंकणी लेखकांनी दुसऱ्या भासांतल्यो कथा मुजरत वाचच्यो. मूळ भास कळनासत जाल्यार तांचें दुसऱ्या भासांतले अणकार वाच्चे. लेखकाचे नांव वेंचता आसतना तांचो कालखंडय मतींत धरचो आनी

दुसऱ्या भासांनी कथेचो विकास खंयचे तरेन जाला हाचो अदमास घेवंचो. आल्बेर, कामू हांगेली 'आउटसायडर' नांवाची एक सुपुल्ली कांदबरी आसा. ती मुळांत फ्रँच भाशेंत बरयल्या. ते कांदबरिच्यो लाखांनी प्रती खपल्यात. नोबेल इनाम मेळिल्ल्या ह्या कथाकारान कसले तरेच्यो कथा बरयल्यात ताची कल्पना तांगेली ती सुपुल्ली कांदबरी वाचून करूं येता. मतींत घेवपा सारकी गजाल म्हळ्यार, कथेक रूप, रंग आनी आकार दिवपाचें काम ज्या फ्रँच लेखकांनी केलां तेच भाशेंतले हालिंच्या तीस-चाळीस वर्सांतले वेगवेगळे लेखक कसले तरेच्यो कथा बरयतात आनी तश्यो कित्याक बरयता ही शिकून घेवपा सारकी गजाल. मॉपासाच्या युगांत फ्रँच कथेक मूळ वा अणकारिल्ल्या रुपांत संवसारभर वाचकांचो एक व्हडलो वर्ग मेळ्ळो. तांचे समकालीन इंग्लंड, स्पेन, इटली, ब्राझील सारकेल्या देशांतल्या कथाकारंची संवसाराक वळख जावंक पावली. आनी भारतीय कथा साहित्याचेर ताचो रोखडोच परिणाम जालो. सॉमरसॅट मॉम, स्टीफन इवायग, आल्बेर्तो मोराविया, ओ हॅन्री हे सारकेल्ल्या लेखकांच्यो कथा भारतीय वाचकांक मानवल्यो आनी तांचे अणकार आमच्या सगळ्या भासांनी जाले. त्या प्रभावा खाला बंगालींत शरतचंद्र चट्टोपाध्याय आनी रवीन्द्रनाथ ठाकूर, मराठींत फडके, खांडेकर, हिंदींत जैनेंद्र कुमार आनी विष्णू प्रभाकर हे सारकेल्ले कथाकार तयार जाले. दुसऱ्या भासांनी तांचे समकालीन कथाकार त्याच प्रभावान भारावन गेल्ले आनी तांणी कथानकप्रधान कथा बरयल्यो. ह्या भासांचे तुलनेंत कोंकणी कथेचें यूग उसरां सुरू जालें. आनी आमच्या चडावत लेखकांचेर त्या कथानक प्रधान कथांचो प्रभाव पडून ते धरतीच्यो कथा ते बरोवंक लागले. अजून त्या प्रभावांतल्यान आमचे कथाकार भायर सरूंक नात".[48]

रचनात केल्लो प्रयोग म्हळ्यार रचनाकारान आपल्या कथा साहित्यांत कथेच्या रचनेचें बादावळींचे प्रयोग. ती कशी सुरवात जावची, तातूंत सुरवात, तिचो मध्य आनी तिचो शेवट कसो आसचो हाचो विचार करता आसतना आपले रचनेचे बादावळींत कथेंत कशे तरेन प्रयोग करप हाचेर लेगीत विचार रचनाकार करता. तेच वांगडा तो हेर प्रयोगशील नदरेंत कथा उबी करता. देखून तांच्या कथांचे प्रयोग दिसतात. हे रचनेच्या केल्ल्या प्रयोगाक लागून एकाच काळावेल्यान दोन कथाकारांचे रचनेंत वेगळेपण दिसता.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा साहित्यांत रचनांचे असले तरेचे प्रयोग केल्ले मेळटात. हे प्रयोगशीलताये विशीं उलयता आसताना दामोदर मावजे म्हणटात,

“चंद्रकांतबाबांक कथेंच्या मळार नवे नवे प्रयोग करपाक मानवताले.”[49] कोंकणी कथेंच्या मळार चंद्रकांत केणींनी विंगड विंगड प्रयोग करून कोंकणी कथा उबी करपाचो यत्न केला.

कथाकार चंद्रकांक केणींच्या कथा रचनेचे बांदावळींत केल्ल्या प्रयोगांच्यो पांच तरा मेळटात. त्यो अशो-

1) संवादरुपी कथा.

2) कल्पक कथा.

3) कपयाळी कथा.

4) सृजन कथा.

5) लघुनाट्यांत्मक कथा.[50]

## <u>1) संवादरुपी कथा.</u>

नाटक हें पुराय तरेन संवादांतल्यान उबें रावता, देखून संवाद हो नाटकाचो आत्मो जाता. केन्ना कथेक गतिशील करपा खातीर वा पात्रांची विचार आनी वळख करपा खातीर कथेंत संवादाचो वापर करतात. कथेंत येवपी हे संवाद ल्हान-व्हड, गंभीर-व्यंग्यांत, हांस्य विनोदपूर्ण, पात्र-प्रसंग, भाव-विशय हांकां धरून कथेंत येतात.

‘संवाद’ ह्या मुखेलपणान नाटकांच्या घटकाचो वापर करून कथाकार चंद्रकांत केणींनी पुराय कथा उबी केल्या. जाका लागून कथेंची सोबितकाय संवादांतल्यान कथानकाची वाड जाल्ली हे कथेंत दिसता. नाटकांतल्या संवादाच्या म्हत्वा विशीं सांगता आसतना पुंडलीक ना. नायक म्हणटात, “संवाद नाटकाक गती दिता. आशय व्यक्त करता. हाजे भायर आनीक एक काम करता तें म्हळ्यार नाटकांतल्या पात्राची वळक घडयता. पात्राच्या तोंडांतल्या संवादा वयल्यान त्या पात्राचो सभाव, ताचो बौद्धीक थर, समाजांतलें ताचें स्थान हाची वळख घडटा”.[51]

कथाकार चंद्रकांत केणींनी जो कथा प्रयोग करून संवादांतल्यान जी पुराय कथा उबी केल्या तातूंत संवाद हे मुखेल काम करतात. कथेंतचें निवेदन आनी वातावरण निर्माण हें

संवादातल्यान जाता. तशेंच कथेच्या पात्रांचो बुद्दीक थर, तांचो सभाव, ताचें सामाजांत त्या पात्रांचें स्थान हें संवादांतल्यान उक्तें जाता. संवादांतल्यान फुलून आयिल्ल्यो तांच्यो कथा म्हळ्यार 'व्हंकल पावणी' ह्या संग्रहांतली कथा 'मांडवी अशींच व्हांवता' तर 'अळमी' ह्या कथासंग्रहांतली 'राती धा वरांचेर' ह्यो कथा देख घेवपा सारक्यो आसात.

कथाकार चंद्रकांत केणी संवादाच्या आदराचेर कथेची वाड तात. 'व्हंकल पावणी' ह्या संग्रहांतली कथा 'मांडवी अशींच व्हांवता' ही पुराय संवादांतल्यान उबी जाता. कथेचो विशय म्हळ्यार शारी वातावरणांत वाडिल्लो तरनाटो जो एका खेड्यातले अस्तुरे वांगडा लग्न जाता पूण ताची ताका लज दिसता. हे कथे विशीं उलयता आसतना प्रा. उल्हास पै भाटीकार म्हाणटात, "शारी संस्कृतींत वाडिल्लो एक तरनाटो सुदेश आनी खेड्यांत वाडिल्ली ताची बायल वासंती हांचो भाव संवाद, संवादांतल्यान फुलयला".[52]

तर 'अळमी' ह्या कथा संग्रहांतली 'राती धा वरांचेर' ही कथा पुराय संवादांतल्यान उबी रावता. रातीच्या धा वरांचेर पणजे, उसगांवां आनी मुंबय तीन बिराडांनी जे एकाच वेळार घडटा तें हे कथेंत येता वा तो कथेचो विशय. संवाद हे तीन बिराडांनी रावपी घोव बायले मदीं आसात. तीं जोडपीं वेगळ्या वेगळ्या सामाजीक, आर्थीक परिस्थिती वांगडा पात्रांची बुद्दीक तांक दाखयतात.

'मांडवी अशीच व्हांवता' ही कथा प्रयोगशीलतेचे नदरेंत विचार केलो जाल्यार ती पुराय संवादांतल्यान फुलून उबी जाली तरी ती विंगड घडणुकांचेर आदरीत आसा, ज्यो विंगड विंगड दिसा आनी वेळाचेर घडटात. तांचो संदर्भ कथेचे संवाद सुरू जावचे पयलीं कथाकार घडणुकेचो वेळ वा दीस दिता जाका लागून कथेंत मदीं मदीं खंड पडटा. देखीक कथाकार कथेच्या पात्रांचो संवाद सुरू करचे पयलीं तो खंयच्या वेळाचो वा दिसाचो संवाद आसा हें कथेंत सांगता, देखून कथा सात भागांनी विभाजीत जाता. देखीक एकदीस आगस्टांतलो. दोन दिसा उपरांत, सप्टेंबरांतलो एक दीस, दिवाळेची रात, आयतार .... राती कडेन, सोमार.... तीनसांजच्या वेळार.[53]

एकदीस आगस्टांतलो. दोन दिसा उपरांत, सप्टेंबरांतलो एक दीस, दिवाळेची रात, आयतार .... राती कडेन, सोमार.... तीनसांजच्या वेळार अशी काळाची वळेरी दिल्ले

कारणान कथेचें आनीक एक स्वरूप पळोवपाक मेळटात तें आसा डायरी पद्दतींत नोंदिल्या घडणुकांचेर आदारीत ही कथा संवादांतल्यात मुखार येता.

पूण संवाद हे दोन पात्रांचे मजगतीं येतात. कथेचो नायक आनी ताची बायल वासंती हांचे मदीं आसात. हे कथेंतलो संवाद कसो आयला तें पळोवपाक एक देख घेवपाक जाता,

**- आयतार ... राती कडेन**.

"तूं इतलें मनाक लावन कित्याक घेता, वासंती? तांकां कसली अडचण आयली आसत देवाक खबर! तुका खाण तशेंच उल्लें म्हुणूच चुरचुरे दिसतले : पूण म्हाका जाल्या तांचो हस्को जावंक लागला."

"पूण एकलो तरी पावचो आशिल्लो ......"

"सगळ्यांनी मेळून येवपाचें थारायिल्लें आसूं येता ....."

"रकाद तरी धाडपाचो न्हय?"

"आज आयतार आमगेर कितें फोन आसा? ह्या दिसांनी 'रास्ता रोको' बी चळवळी जातात. खंय वाटेर अडून उरिल्ले नासल्यार पुरो ......."

"आतां हें सगळें खाण कितें करूं?"

"हें पळय, शिरो आज फाल्यां करून आमी खावूंया .... हेर खाण तशेंत दवर ..... फाल्यां हांव तांकां घेवन येतां."[54]

ह्या संवादांतल्यान आयिल्ल्या कथा प्रयोगाचो विचार भारतीय साहित्य असमिया कथा साहित्य असमिया कथाकार निरोध चौधुरी हांणी आपल्या कथा प्रयोगांत असलो एक प्रयोग केल्लो मेळटा.[55]

तशेंच राती धा वरांचेर ही कथा पणजे, उसगांव आनी मुबंय हेर तीन बिराडांनी जें एकाच वेळार घडटा ताजेर आदारीत कथा आसा. ही कथा खंय घडटा तें कथाकार संवादा पयलीं दिता, उपरांत कथा संवादांतल्यान उबी रावता. देखून कथा तीन प्रकारणांनी येता. आनी तातूंत दर एकांत एक जोडपें येता अशे तरेन तीन जोडप्यांच्या संवादांतल्यान कथा उबी रावता. देखीक -

मुंबय

“आयज गाडी चुकली?”

“ना.”

“मागीर वेळ कित्याक?”

“सिनेमाक गेल्लों?”

“कोणाबरोबर?’

“ही उलटतपासणी कित्याक?”

“तूं सिनेमाक फोल्गां मारता. हांगा म्हजो जीव कासावीस.”

“आता भुरगें न्हय तूं !” [56]

अशें तरेन कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार संवादातल्यान कथा फुलोवपाचो प्रयोग केल्लो मेळटा.

**<u>2) कल्पक कथा</u>**.

कथेच्या मळार केल्ल्या प्रयोगांत कथाकार चंद्रकांत केणींनी कल्पक कथा बरोवपाचो एक प्रयोग केला. कल्पक म्हळयार जाका इंग्लेज भाशेंत ‘इमेजीनरी’ कथा म्हणटात. कथाकार आपले कल्पनेचो आदार घेवन एक कथा उबी करता. केन्ना केन्ना कल्पकतायेचो आस्पाव जाता.

लघुकथेच्या रचना तत्वांत एक म्हत्वाचें तत्व आसा, तें दृश्टकोण अशें हरिमोहन सांगतात. ते म्हणटात, “दृश्टिकोणा शिवाय कथेचे रचनेचो कसलोच उद्देश्य ना”.[57] देखून जेन्ना रचनाकर कसले तरेची कथा बरयता जाल्यार तातूंत कसलोय उद्देश हो आसताच. मागीर ती कथा कल्पकतायेचो आदर जावन बरयल्ली आसूं येता.

‘किस्सा मुर्गीका’[58] ही कथा कथाकार चंद्रकांत केणींच्या ‘व्हंकल पावणी’ ह्या संग्रहांतली कल्पक कथा आसा. ही कथा देवा मुखार चित्रगुप्ताच्या दरबारांतल्या निवाड्याचेर आदारून घडटा. कथेंतली पात्रां कोण, कोंबो आनी कोंबी, तिचो धनी आनी ताची घरकान्न, जी कल्पकाचेर आदरीत आसा. कथाकार चंद्रकांत केणी हे कथेची सुरवात अशे कल्पक तरेन करतात.

"आज खंयची केस आसा, चित्रगुप्त?"

"देवा, भांगरांचीं तांतयां घालतले कोंबयेची केस."

"आरोपी, फिर्यादी आयल्यात?"[59]

चित्रगुप्तान व्दारपालाक आपोवन घेतलो आनी सगळ्यांक देवाल्या दरबारांत हाडपाचो आदेश दिलो.

जे कल्पक तरेन चंद्रकांत केणी कथेंची सुरूवात करतात तेच कल्पक तरेन तांचो समारोप करतात. ही कथा म्हळ्यार कोंकणी कथेंत एक आगळो वेगळो प्रयोग कथाकार चंद्रकांत केणींनी केला. चंद्रकांत केणींची ही कल्पक कथा जर घेतली जाल्यार तातूंत कल्पाकतायेचीं तत्वां उठून दिसतात. तातूंत सादी भास आनी सोंपे अशें संवाद येतात.

## <u>3) कपयाळी कथा</u>.

जेन्ना ल्हान व्हड अशों कपयो एकठांय करून एक कपयाळें तयार जाता. तशेंच कथाकार चंद्रकांत केणींन ल्हान व्हड कपयो म्हळ्यार प्रसंग वा अणभव वा घडणुकांचेर आदारून कथा रचपाचो प्रयोग केल्लो मेळटा. हो प्रयोग भारतीय कथेंत जाला. पूण असल्या कपयाळी कथा प्रकाराचो प्रयोग करपी भारतीय कथाकारा मदीं म्हळ्यार सिंधी कथाकार मोहन कल्पना. ह्या कपयाळी प्रयोगांतली कथा कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी अणकार करून हाडिल्ली मेळटा.[60]

कथेंत एका विशिश्ट घडणुकेच्या वा प्रसंगाच्या आदराचेर एक एक कपयाळें आसता. हीं विंगड विंगड कपयाळीं एकठांय येवन पुराय कथा आपलो आकार घेता. कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा प्रयोगांत कांय अशे प्रयोग केल्यात. देखीक 'खंत ना, खेद ना' आनी 'अनोळखी' ह्यो 'व्हंकल पावणी' ह्या संग्रहातल्यो कथा घेवपाक जाता.[61]

'खंत ना, खेद ना', ही कथा चार कपयाळीं एकठांयिल्ली कथा आसा तर 'अनोळखी' स कपयाळीं एकठांय करून घडयल्ली कथा आसा.

'खंत ना खेद ना' हे कथेंत 'एक' हातूंत सुलक्षाचो बापूय आपल्या मनांतली व्यथा व्यक्त करता 'दोन' हातूंत सुलक्षाचे आनी ताच्या बापायचे लग्ना संबदीत मतभेद येतात.

‘तीन’ हातूंत सुलक्षाच्या बापायचें आनी शेखराचें लग्ना संबदीचें मत येता. ‘चार’ हातूंत सुलक्षा नात्याक संमती दिता आसतना लग्ना संबदीत विचार व्यक्त करता.[62]

‘अनोळखी’ कथेंत स कपयाळीं आसात. पयल्या हातूंत ‘1’ शंकर शाळेच्या वज्रा उत्सवाच्या निमतान गोंयांत येवपाचो आसा हे विशीं वाचपाक मेळटा. ‘2’ हातूंत सुधाक मेळिल्ल्या पत्रा संबंदात आपल्या मनाची व्यथा उकती जाता. ‘3’ हातूंत कथाकार आपले निवेदन पुराय घटीत घटणेंतल्यांत दिता. ‘4’ हातूंत सुधा शंकराक मेळचे पयली ताच्या मनांत विचारांचें झूज चलता ताची मानसीक परिस्थिती दाखयल्या. ‘5’ हातूंत शंकर आनी सुधाची भेट येता. तर ‘6’व्या कपयाळ्यांत शंकराची व्यथा येता.[63]

**4) सृजन कथा.**

कथाकार चंद्रकांत केणींचो कोंकणी कथेंच्या मळार नदरेक भरता तो प्रयोग म्हळ्यार सृजन कथेंची निर्मणी आसा. सृजन कथे विशीं सांगता आसतना *Sigmun Freud* म्हणटात, “*..every child behaves like a creative writer, in that he creates a world of his own, or rather, rearrange the things of his world in own, or rather, rearrange the things of his world in a new way which please him …… he takes his play very seriously and he expends large amounts of emotion on it. the creative writer does the same as the child at play. he creates a world of fantasy which invest with large amounts of emotion - which separating it sharply from reality.*”[64] म्हणल्यार, सृजनात्मक बरोवपी आपल्या बरपांत कल्पकतायेन नव-नवीन भावनेक जल्म दिता, ताची लेखणी सत्य स्पश्ट दर्शयता. जशें एक ल्हान भुरगें आपले उमाळे निस्वार्थ आनी मेकळेपणा व्यक्त करता. जे तरेन एक भुरगें आपली भुमिका सहजपणान व्यक्त करता तेच तरेन बरोवपी आपली विचार शक्ती कल्पकतायेन सहजपणान व्यक्त करता.

‘व्हंकल पावणी’ ह्या संग्रहांतली ‘जननी’ ही कथा म्हळ्यार सृजन कथेचो प्रयोग. ‘जननी’ हे कथेंत कथाकार चंद्रकांत केणी जगत जननी जिणदिणे अस्तुरेचो सृजनात्मक दिश्टावो करून दितात. हे कथें संबदात उलयता आसतना प्रा. हनुमंत चोपडेकार म्हणटात,

"ज्या तरेन तांणी ही कथा रचल्या ती तरा खऱ्यानीच अप्रतीम. अलौकिकतायेंतल्यान लौकिकताय साधपाचो यत्न ही कथा करता. एक सोबीत सुंदर रूपाक हांगा हे कथेंतल्यान तांणी शब्दबध्द केल्या".[65]

कथाकार दामोदर मावजो हे 'जननी' कथे विशीं उलयता आसतना म्हणटात, "जननी ही कथा घेवया. सर्जनानुभूतीचो आविशकार घडोवपी ही कथा म्हणल्यार एके वेगळे शैलींत आनी वेगळ्या मुडांत बरयिल्ली कृती. कथानक व्हडलेंशें ना. पूण कथन करपाचो लेखकाचो कलात्मक किंवाटो दिश्टी पडटा. म्हजे नदरेन हो एक बरो प्रयोग आसलो तरी ही फशिल्ली कथा. भाशेचें लालित्य भोव सुंदर. पूण जिणेचें एक व्हडलें सत्य गूढ उतरांनी सांगपाचो यत्न लेखकान केला. मोगाक लागून सर्जन घडटा हाचो अणभव 'ती' घेता. ती ही कोण? एक अस्तुरी? एक झाड? काय लेखकाची प्रतिभा? ती कोणूय आसूं येता, पूण ती एक जननी, हें सांगपा खातीर लेखकान विणिल्ल्या मायाजाळांत चोखंदळ वाचक फारावना. उतरांचो खेळ आनी विचारांची पुनरावृत्ती टाळून कथा अदीक मोटवी केल्ली जाल्यार घडये तो एक जैतिवंत प्रयोग जावं येता".[66]

कथाकार चंद्रकांत केणींनी सृजन कथेच्या मळार केल्लो प्रयोग म्हळ्यार जननी ही कथा. कथेंत ती आयली ती अस्तुरी सृजनात्मक दर्शन घडयता. ते कथेंत अशे तरेन आयला. देखीक - " ....... काळखे रातीर मळबार जोगूल चकचकिल्लेवरी तांकां दिसलें. सोबित नागणीच्या दोळ्यांत विखाळ मोहिनी आसता तसली ओड तिगेल नदरेंत आसली ......... मोहिनी ओंठांचेर देविल्ल्याचो तांकां भास जालो ...... तानेल्ल्या जिवांक स्वातीचे थेंब मेळ्ळे आनी ताणीं ते पियेवन घेतले. पियेवन तांची तान वाडली".[67]

## <u>5) लघुनाट्यात्मक कथा.</u>

कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्यो हेर कथा ह्या प्रयोगांतल्यान केल्यात. तातूंत 'लघुनाटयात्मक' हो एक कथा प्रयोग आसा. 'अळमी' हातूंत आयिल्ली 'पिकिल्लीं पानां' हो असलोच लघुनाट्यात्मक प्रकार आसा. 'पिकिल्लीं पानां' ही कथा नाटयात्मक स्वरुपांत कथाकार चंद्रकांत केणी उबी करतात. ही कथा एका म्हाताऱ्या जोडप्यां मदल्या संवादांतल्यान उबी जाता. देखीक -

घोव : आज नुस्तें मोव जाल्लें.

बायल : मोव जावंक ना. बर्फांतलें तें.

घोव : कोण सांगता ना म्हणून. मोवच तें, सामकें पोंवशेल्लें. अजून गळ्या कडेन कचरता.

बायल : तो गुन्यांव नुस्त्याचो न्हय. तुगेले जिरवणेचो. इल्लो लिंबाचो रोस घे.

घोव : म्हगेले जिरवणेक कांयच जावंक ना. नुस्तेंच पोंवशेल्लें.

बायल : सोड .... नुस्तेंच तें. नाका जाल्यार खावचें न्हय आशिल्लें.

घोव : मागीर खावचें आशिल्लें कितें?

बायल : हांव पापोड भाजून वाडटलीं आशिल्लीं.[68]

## निश्कर्श

आधुनीक कथेंच्या मळार कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेंच्या मळार नवे प्रयोग केल्ले मेळटात. कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्यांत आपले अशें खाशेंले योगदान दिल्लें आसा. नवो विशय, नवो मंत्र आनी नव्या विशयांत भर घालून कोंकणी कथेक नवो आयाम दिला आनी तशेंच तांचे कथेक संवसारीक पांवडो आसा. कोंकणी कथेंत तांणी विंगड विंगड प्रयोग केल्ले आसात. कोंकणी कथा ही खंयच्याच पांवड्याचेर फाटी उरची न्हय देखून तांणी कोंकणी कथेच्या मळार नवे प्रयोग केल्ले. चंद्रकांत केणींच्या चडशा कथांतलें कथानक हें अस्तुरी पात्रांच्या भोंवतणी घडून कथा उबी जाता आनी तातूंतल्यो नायिका फॅशनेबल आसतात. तांच्या कथांनी अस्तुरेची विविधताय पळोवपाक मेळटात आनी प्रत्येक अस्तुरेक तांणी वेगळे तरेन वाचकां मुखार दवरल्या. तांच्या बारीक गजालींचे आनी हालचालींचें वर्णन ते करतात.

***

## संदर्भ.


1. डॉ. गौतम, सुरेश. आनी गौतमी, वीणी. (संपादक). भारतीय साहित्य कोश खंड- 1. संजय प्रकाशन, दिल्ली; 2008. पान, क्र. 411.
2. सरदेसाय, लक्ष्मणराव. कथा शिल्प. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1977. पान, क्र. 87.
3. केणी, चंद्रकांत. आशाढ पांवळी. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1973. पान, क्र. प्रस्तावना.
4. घाणेकार, दामोदर के. (संपादक). Rajhauns New Generation English Konkani Dictionary. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2007. चवथी खेप. पान, क्र. 580.
5. Pathak, N. R. Dictionary of Literary Term. Murari Lal & Sons, New-Delhi; 2004. पान, क्र. 289.
6. Sharws, Harry. Dictionary of Literery Term. Mac Raw Hill Books Company; 1905. पान, क्र. 399.
7. सरदेसाय, लक्ष्मणराव. कथा शिल्प. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1977. पान, क्र. 87 -88.
8. ... कोंकणी वर्सुकी 2005. पान, क्र. 20. लेख : गोंयांतल्या कोंकणी साहित्यांतली खाशेलेपणां ..... : एन् शिवदास.
9. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन मडगांव; 1996. पान, क्र. 40.
10. ... बिम्ब, दिवाळी अंक 1999. पान, क्र. 85. लेख : रवीन्द्र केळेकार हांची मुलाखत.
11. ... कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक 1988. पान, क्र. 7. लेख : साहित्य आनी साहित्यीक : केणी, चंद्रकांत.
12. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 21. लेख : चंद्रकांतबाब केणी .... एक जिवीतयात्रा : सरदेसाय, मनोहरराय.
13. नागवेंकार, हरिश्चंद्र : आस्वादन. गोंयकार प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1987. पान, क्र. 86.
14. केणी, चंद्रकांत. आशाढ पावळी. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1973. पान, क्र. प्रस्तावना.

15. ... कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक 1987. पान, क्र. 47. लेख : म्हाका आवडलेल्यो कोंकणी कथा : नायक, उल्हास यशवंत.
16. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 10, 12.
17. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. प्रस्तावना.
18. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 40. लेख : चंद्रकांत केणी उगडासांत उरिल्लो ..... : डॉ. बुडकुले, किरण.
19. Dr. Bhattacharya, Arunodoy. Studies in selected short stories. Bookway Kolkata; second edition 2007. पान, क्र.. 132.
20. ..... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 54. लेख : आधुनीक कोंकणी कथेचो बुन्यादी रचनाकार चंद्रकांत... : नायक, पुंडलीक ना.
21. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय. कुळागर प्रकाशन मडगांव; 1996. पान, क्र. 44.
22. कुळागर, डिसेंबर 1989. पान, क्र. 24. लेख : व्हंकल पावणी एक नियाळ : प्रा. भाटीकार, उल्हास पै.
23. Sarkar Subhas. Literary Essays. The world press privated limited; 1997. पान, क्र. 57 - 62.
24. .... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 19. लेख : पुनरूत्थानपर्वाचो कथाशिल्पी : नागेश, करमली.
25. Prasad, Amar Nath. (संपादक). Indian Women Novelists in English. Atlantic Publisher and Distributors, New-Delhi; 2001. पान, क्र. Preface.
26. Bhat, Yashoda(Ed.) And Rao, Yamuna Raja. (Associated ed.) (संपादक). The image of Woman in Indian literature. B. R. Publishing Corporation, Delhi; 1993. पान, क्र . Introducation.
27. नायक, जंयती. कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा, एक सानाजीक संस्कृतीक अभ्यास. गोंय विद्यापीठांत सादर केलो प्रबंद. 2004. पान, क्र. 11.
28. ... बिंब, मार्च अंक 2008. पान, क्र. 49. मुलाखत : डॉ. माधवी सरदेसाय.

29. शरण, डी. के. भारतीय इतिहास में नारी. क्लासिकल पब्लिशिंग कम्पनी, नई-दिल्ली; 2007. पान, क्र. 13.
30. ... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान, क्र. 12. लेख : भोवप्रसवी साहित्यकार : मावजो, दामोदर.
31. .... जैत, दिवाळी अंक. 2009. पान, क्र. 69 -70. लेख : कथाकार चंद्रकांत केणी : खरंगटे, माया.
32. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 17 -18.
33. तत्रैव; पान, क्र. 47.
34. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 26. लेख : कथाकांत : मावजो, दामोदर.
35. ... कोंकणी, वर्सुकी अंक 2001. पान, क्र. 80 -81. लेख : कोंकणी कथेंतली बायल प्रतिमाः प्रा. वजरीकार, प्रकाश.
36. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. प्रस्तावना.
37. डॉ. चौधरी, वेदवती. नवम् दशक की कहानियों में कामकाजी नारी की भुमिका. अन्नापुर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2003. पान, क्र. 11.
38. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 85.
39. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 15.
40. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंतक भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 72.
41. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 76.
42. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 56.
43. तत्रैव; पान, क्र. 144.
44. ..... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 102. लेख : व्हंकल पावणी : चोपडेकार, हनुमंत.

45. ... जाग, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, पान, क्र. 23. लेखः म्हका उमजल्ली चंद्रकांतबाबांली कथा : आचार्य, योगिनी.

46. Dutta, Kalyannath. A Constellation of literary & Critical Terms. Bookway, Kokata; 2005. पान, क्र. 106 -107.

47. Millan, LAN. The Novel in English an Introduction. Mac Millan International Collage Publication; 1983. पान, क्र. 142-143.

48. .... जाग, सप्टेंबर - ऑक्टोबर 2002. पान, क्र. 16. लेख : कोंकणी कथेन मोटवे सुवार्थ कुशीक सारून दिगंत मळबांत ..... : केणी, चंद्रकांत.

49. ... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान, क्र. 11. लेख : भोवप्रसवी साहित्यकार : मावजो, दामोदर.

50. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 99 -104. लेख : व्हंकल पावणी : चोपडेकार, हनुमंत.

51. ... (संपादक), साहित्य शिल्प, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1995. पान, क्र., 61.

52. .... कुळागर, डिसेंबर 1989. पान क्र. 23 -25. लेख : व्हंकल पावणी एक नियाळ : प्रा. भाटीकार, उल्हास पै.

53. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 107 - 118.

54. तत्रैव; पान, क्र. 107 - 118.

55. केणी, चंद्रकांत. कथा भारती. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2006. पान, क्र. 20 - 24.

56. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 40.

57. हरिमोहन. साहित्य विद्याएँ : पुर्नविचार. वाणी प्रकाशन, नई-दिल्ली; दुसरी खेप 2005. पान, क्र. 164.

58. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 132 - 139.

59. तत्रैव; पान, क्र. 132 - 139.

60. केणी, चंद्रकांत. कथा भारती. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2006. पान, क्र. 16.

61. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 140 - 150 आनी 86 - 93.

62. तत्रैव; पान, क्र. 141 - 150.

63. तत्रैव; पान, क्र. 86 - 93.

64. Lodge, David. (संपादक) 20th century literary criticism. Lonman Group lts - London; 1972. पान, क्र. 36.

65. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 103. लेख : व्हंकल पावणी : चोपडेकार, हनुमंत.

66. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 25. लेख : कथाकांत : मावजो, दामोदर.

67. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 152.

68. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 101.

# 4. कथिका आनी चंद्रकांत केणी

## 4.1 भारतीय साहित्यांत कथिका हो साहित्य प्रकार आनी कोंकणी कथिकेंत चंद्रकांत केणींचें योगदान.

## 4.1 भारतीय साहित्यांत कथिका हो साहित्य प्रकार आनी कोंकणी कथिकेंत चंद्रकांत केणींचें योगदान.

'कथिका' हो लघुकथेवरीच एक वाङ्मय प्रकार. 1995 वर्सा मेरेन कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार कथिकेक स्वतंत्र अस्तित्वाचो कथा साहित्य प्रकार म्हूण संग्रहीत स्वरुपांत प्रतिश्ठा मेळ्ळी. कोंकणी कथा साहित्याच्या मळार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथिका केळयली. देखून कोंकणी कथिकेचो जनक म्हूण तांकां मान फाव जाता.

साहित्याच्या मळार कथा हो सगल्यांत लोकप्रीय साहित्य प्रकार. 'Introduction to literature' ह्या पुस्तकांत कथे विशीं उलयतना अशें म्हणटात, *A story may be as brief as a three line anecdotes or as long as a linked series of bulky novels, it may be wholly dramatic or a mixture of action and essays. It may deal with common place and thoroughly believe able events or with fantastic and even impossible adventure.*[1]

कथा ह्या साहित्य प्रकारांत जायते प्रकार आसात. चंद्रकांत केणींनी तातूंत वेगळेवेगळे प्रयोग करून ते कोंकणी कथेंत केळयल्यात. हातूंतलो पयलो प्रयोग म्हणल्यार 'काणलां' (anedotes)[2]. ह्या संबंदान तांचो एक 'काणलां' संग्रह मेळटा. तो म्हणल्यार 'तरेतरेची सवंगां' जो 1973 वर्सा सोबीत साहित्य प्रकाशनान उजवाडाक हाडला. जाल्यार दुसरो 'कथिका' हो साहित्य प्रकार आसा.

कोंकणी कथा साहित्यांत पयलो वयलो कथिका संग्रह संग्रहीत स्वरुपांत 1993 वर्सा मेळटा. पूण ताचे पयलीं चंद्रकांत केणींनी हो साहित्य प्रकार पत्रकारितेचेर केळयिल्लो दिश्टी पडटा.

कोंकणी कथा साहित्यांत 'कथिका' हो साहित्य प्रकार सारकोच नवो असो, हो प्रयोग चंद्रकांत केणींनी केल्लो आसा. लघुकथे परस मोटवो आकार हे कथिकेचें खाशेलपण. ह्या धांवपळीच्या संवसारांत मनशा कडेन मात्तूय फुरसत ना. देखून थोड्या वेळांत सहजपणान वाचपाक मेळपी असो साहित्य प्रकार म्हणल्यार 'कथिका', जाल्यार बरोवप्यान एके बसकेंत बरोवन काडिल्लो साहित्य प्रकार म्हणल्यार 'कथिका'.

कथाकार चंद्रकांत केणी हे कथेचे विलक्षणीय मोगी आसले. 1990च्या दसकांत तांणी कोंकणी कथेच्या मळार प्रयोग करपाक सुरवात केली. हे विशीं सांगता आसतना डॉ. माधवी सरदेसाय म्हणटात, "चंद्रकांतबाबांचो जीव आसलो कथेचेर. आधुनीक कोंकणी कथेची मुळावण तांणी घाली आनी पांचेक दसकां ह्या मळार सातत्यान लेखन केलें. ह्या प्रवासांत तांकां 'कथिका' मेळ्ळी. ती तांणी केळयली. इतलेंच न्हय तर कोंकणी कथा फुलची, चंवरची म्हुणणूय ते उमेदीन वावूरले."[3]

कोंकणी कथा साहित्यांत चंद्रकांत केणींनी जे प्रयोग केल्यात ते विशीं खास चंद्रकांत केणीच सांगतात, "फाटलीं तीन वर्सां हांवें हो साहित्यीक प्रयोग चलयला. पूण कथिकेचो म्हजे कल्पनेंतलो तोंडावळो अजून म्हाका संवकळीचो जावंक ना. 'कथिका' बरोवपाचें तंत्र गावतां गावतां म्हज्या हातांतल्यान गळसणून पडटा. आनी बरोवंक घेतिल्ली कथिका केन्ना कथेचें, केन्ना निबंदाचें जाल्यार अनामी गद्य प्रकाराचें रूप घेवन बसता. व्याख्या होलमना. कल्पनेंतलो आकार अजून निराकार आसा."[4]

भारतीय साहित्यांत कोंकणी कथिकेचो विचार केलो जाल्यार 'कथिका' हो कथा साहित्य प्रकार सगल्यांत पयलीं बंगाली साहित्यांत मेळटा.

1900च्या सुमाराक कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर हांणी 'लिपीका' नांवाचें एक ल्हानशें पुस्तक बरयलें. हें पुस्तक गद्य काव्यांत मोडटा. ताका 'कथिका' अशें म्हणलां. भारतीय साहित्यांत कथिकेचो विचार केलो जाल्यार 'कथिका' ह्या कथा साहित्य प्रकाराचो जल्म कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर हांच्या बंगाली साहित्यांत बंगाली बशेंतल्यान जालो अशें म्हणल्यार चूक जावचें ना. कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर हे एक व्हड साहित्यीक. कविते खातीर तांकां नोबेल पुरस्कार मेळ्ळा. कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर स्वताक कवी म्हूण पाचारतात पूण कांय जाण तांकां आर्विल्ल्या भारतीय कथाकारां मदले एक कथाकार अशें मानतात.[5]

अशा ह्या व्हड बंगाली साहित्यकारान साहित्याच्या मळार वेगळेवेगळे प्रयोग केल्यात. तातूंत कवितेच्या मळार तांणी केल्लें हे विशींचें योगदान अतुलनीय आसा. ह्या प्रयोगांतलो

एक प्रयोग म्हणल्यार 'कथिका'. तातूंत काव्य आनी गद्य म्हणल्यार कथा आनी कविता हांकां एकरूप करून केल्लोम प्रयोग म्हणल्यार 'कथिका'.

चंद्रकांत केणींनी कोंकणीत हाडिल्ले हे कथिकेचे प्रेरणे विशीं सांगता आसतना तेच म्हणटात, "कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर हांगेलें 'लिपीका' नांवाचें एक सुंदर पुस्तक आसा. वेगळे तरेच्या ललीत साहित्याचे नमुने ह्या पुस्तकांत आसात. चडशीं गद्य काव्यां. कांय रुपक कथा आनी कांय कथिका. बंगाली मासिकांनी रवीन्द्रनाथांनी हीं गद्यकाव्यां कथिका म्हणून उजवाडायलीं. हांवें त्यो कथिका वाचूनच 'कथिका' हो साहित्य प्रकार बरोवपाची प्रेरणा मेळ्ळी."[6]

कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोर हांगेल्या 'लिपीका' नांवाच्या पुस्तकांतल्यान प्रेरणा घेवन चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथा साहित्यांत कथिका हो साहित्य प्रकार हाडलो. पूण लिपीकेचें स्वरूप आनी खाशेलपणां विशीं सांगता आसतना रवीन्द्र केळाकार म्हणटात, "लिपीका नांवाचें ल्हान ल्हान कथांचें वा म्हणुया कथिकांचें, कथा तर त्यो आसातूच, ते भायर मुक्तछंदांतलें काव्यूय तांकां म्हणूं येता."[7]

रवीन्द्रनाथ टागोरांचे कथिकेचें स्वरूप म्हणल्यार काव्यात्मक, तातूंत मुक्तछंदांतलें काव्य मोडटा आनी तातूंतलो विशय सामको सादो आनी सरळ असो. एका ल्हानशा प्रसंगाक वा घडणुकेक म्हत्व दिल्लें आसता आनी मोजक्याच उतरांनी कथिका घडटा. कोंकणी साहित्या अंतर्गत 'कथिका' ह्या साहित्य प्रकाराचो विचार केलो जाल्यार कोंकणी साहित्यांक कथिका ही बंगाली साहित्यांतल्यान आयल्या. हो प्रकार बंगाली साहित्यांत कवीवर्य रवीन्द्रनाथ टागोराच्या 'लिपीका' नांवाच्या कथिका संग्रहांतल्यान 1990च्या सुमाराक उजवाडाक आयलो. पूण कोंकणी साहित्यांत कोंकणी 'कथिका' संग्रहीत स्वरुपांत येवपाक व्हडलो काळ लागलो. 1993 वर्सा कोंकणींतलो पयलो वयलो कथिका संग्रह मेळटा.

कोंकणी आनी बंगाली कथिकेचो तुलनात्मक विचार केलो जाल्यार अशें दिसून येता की, बंगाली कथिका पुराय मुक्तछंदांतल्यान जाल्यार कोंकणी काव्यात्मक रूप सोडून पुराय

गद्य स्वरुपांत आयल्या, कोंकणी कथिका ही गद्य स्वरुपांत आसून तातूंत काव्य खंयच दिश्टी पडना.

बंगाली कथिके कडेन चंद्रकांत केणींचो संबंद कसो आयलो हे विशीं ते सांगतात, जेन्ना ते आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत दिल्लीक रावताले तेन्ना वेगळ्यावेगळ्या भासांतलें साहित्य वाचपाचीं संद तांकां थंय मेळ्ळी. तशेंच वाचन करता आसतना एक दीस बंगाली साहित्यांतली रचना 'लिपीका' म्हणल्यार 'कथिका' तांकां थंय मेळ्ळी. तेन्ना बंगाली भास तितली बरी वाचपाक येनासली. (उलोवपाक येताली आनी उलयिल्ली समजताली, उपरांत ते ती शिकले). देखून थंयच आचार्य काकासाहेबांच्या सहवासांत रावपी एक मनीस आसलो, (त्या मनशाचें नांव तांकां याद जायना). ताका बंगाली भास वाचपाक, उलोवपाक बरी येताली. तेन्ना तांणी त्यो बंगाली कथिका त्या मनशा कडल्यान वाचून घेतल्यो. तो साहित्य प्रकार तांकां खूब आवडलो आनी मानवलो. तेन्ना तांकां दिसलें की, असलो साहित्य प्रकार कोंकणींतल्यानूय येवपाक जाय. आनी तेन्ना सावन तांणी तो कोंकणींत हाडलो.[8] पूण ते गद्य साहित्यकार आशिल्ल्या कारणान बंगालींतलें मुक्तछंदांतलें काव्य कोंकणींत पावतकच ताचें पुराय गद्यांतर जालें.

भारतीय साहित्या अंतर्गत 'कथिका' ह्या कथा साहित्याच्या प्रकारा विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "रवीन्द्रनाथ टागोराचें 'लिपीका' नांवाचें पुस्तक वाचले उपरांत हांव प्रभावीत जालों. कारण हांव जे तरेची कथा बरयतालों ती कथा हे कथिकेंत एकरूप जाताली."[9]

ह्या संबंदान अ. ना. म्हांबरे सांगतात, चंद्रकांत केणी जी पयली वयली कथेची रचना करताले ती कथिकांची, ते जें साहित्य रचताले तें कथिकेच्या स्वरुपाचें आसलें. ताणें म्हाका एके खेपे सांगिल्ल्याचो उगडास जाता, आपली पयली कथा म्हणल्यार 'कथिका', रिवणा सावन ना. भा. नायक, 'भारतमित्र' काडटाले तातूंत आयिल्ली. कोंकणी साहित्यांत कथिकेचो प्रकार चंद्रकांतानूच हाडिल्लो.[10]

मुखार चंद्रकांत केणी कथिका ह्या कथा साहित्य प्रकारा विशीं उलयतना सांगतात, "..... 'कथिका' नांवाचो एक नवो कथा प्रकार हांवें कोंकणींत हाडपाचो यत्न केला. ताका

मात अपेक्षा आनी कुतूहलाचो येवकार मेळूंक लागला. अजून तो प्रकार प्रयोगावस्थेंत आसा. कथिका म्हणल्यार कथा वा लघुत्तम कथा न्हय. एक अशें कथाबीज जातूंतल्यान एक समर्थ कथा किल्लूं येताली. पूण कथाबीज तितलें वाचकांच्या मनांत रोयलें म्हणटकच लेखकाचें काम सोंपता. वाचकाचें व्यक्तीमत्व, ताचें अणभवविश्व, ताच्यो संवेदना, ताची कल्पकताय हांचेर त्या बियांचो फुडार आदारिल्लो उरता."[11]

कथिका हो कथेचो एक प्रकार. साहित्यांत कथेचीं जीं रुपां आसात, तांतलें कथिका हें एक रूप. पद्यकथा आनी कथा हांच्या हुमऱ्यार उबो राविल्लो हो एक कथा साहित्य प्रकार आसा. पूण मोजक्याच उतरांनी आनी मोटव्या आकारांत ती येवपाक जाय. ह्या संबंदान भिकू बोमी नायक म्हणटात, "... कोंकणी साहित्यांत पुरायपणान मोटवी कथा तथा कथिका हो प्रकार केणीबाबांनी हाडलो."[12]

'कथिका' म्हणल्यार कितें हे विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी कथिका ह्या कथा साहित्य प्रकाराचें वेगळेपण सांगतात. कथिकेचीं लक्षणां आनी काशेलपणां हांचे विशीं सांगतात, "कथिका हो कथेचो एक प्रकार. साहित्यांत कथेचीं जीं साबार रुपां आसात, तांतलें कथिका हें एक सुरबूस रूप. पद्य कथा आनी कथा हांचे शिमे वयलो तो एक साहित्य प्रकार म्हणूं येता. कथेंत लघुकथा (short story) नांवाचो एक प्रकार आसा. लघुकथा आकारान ल्हान कथा न्हय. तेच भशेन कथिका म्हणल्यार ल्हान लघुकथा न्हय. कथिकेचो आकार सुटसुटीत आसचो आनी एकेच बसकेंत ती वाचून जावची हीं कथिकेचीं लक्षणां म्हणूं येतात. पूण कथिका म्हणल्यार पूर्ण कथा न्हय. कथेचो अंश आशिल्लो वा बीं आशिल्लो तो एक असो साहित्य प्रकार, जो वाचतकच ताचे तरंग मनांत उदेत रावतात. लघुतम कथा (short - short - story) नांवाचो आनीक एक कथा प्रकार आसा, पूण कथिका म्हणल्यार लघुतम कथाय न्हय."[13]

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्या विशीं उलयता आसतना, तांचे कथे विशीं सांगता आसतना दामोदर म्हावजे तांकां कोंकणी 'कथिकेचो जनक' म्हूण पाचारतात. आनी कथिके विशीं सांगता आसतना दामोदर म्हावजे म्हणटात, "आयज आमी चंद्रकांत बाबांक 'कथिकेचो जनक' म्हूण पाचारतात. खासा चंद्रकांतबाब लेगीत 'कथिका' हो प्रकार कथे

परस चिके वेगळो अशें लेखताले. म्हजें मत मात वेगळें. कथिका हीय कथाच, विस्तार ल्हान आसा देखून तिका कथिका म्हणूंक जाय. आटाप ल्हान आशिल्ल्यान केन्ना केन्ना कथिका हो ललित निबंद आनी कथा हांचे मदलो साहित्य प्रकारसो दिसता. हें इतलेंच तिचें वेगळेपण अशें आसलें तरी कथिका बरोवप हें कठीण काम. गागर में सागर भरपा इतलेंच कठीण. पूण हें काम चंद्रकांतबाब सहजतायेन करताले. ताचें कारण म्हाका दिसता, जें कितें सांगपाचें आसा तें थोड्या भितर सांगून मेकळो जावपाचो तांचो स्वभाव आसूं येत."[14]

कथिकेचो आरंभ कसो आसचो आनी अंत कसो आसचो हाचेर विचार करता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "कथिकेक आरंभ आसपाची गरज नासता आनी तिका अंतय नासता. उल्कापाताच्या देखाव्या सारको, खीणभर नदरे मुखार पर्जळून काळजाक आफूडपाचो असो तो एक साहित्य प्रकार म्हणूं येत."[15]

'कथिका' हो साहित्य प्रकार बरोवप्याच्या मनांत कसो आकार घेता आनी तो वाचपच्यांच्या मनांत कशे रितीन पावता हे विशीं चंद्रकांत केणी म्हणटात, "कथिका म्हळ्यार पूर्ण कथा न्हय. एके ल्हानशे बिये पसून म्हारूख जावं येता. कथा ही लेखकाच्या मनांत रुजता, वाडटा, फुलता आनी फळटा. कथिकेचें बीं मनांत रुजतां रुजतां लेखक तें वाचप्यांच्या मनांत पावयता आनी आपूण फाटीं सरता. त्या बिया पसून कसले तरेचें झाड जातलें, ताचो रंग गंध कसो आसतलो हें वाचप्यांची प्रकृती, तागेले संस्कार, ताची वृत्ती आनी ताचे भोंवतणचें वातावरण हांचेर आदारून उरता."[16]

कथिकेची व्याख्या कशी आसची हे विशीं सांगता आसतना चंद्रकांत केणीं ती अशे तरेन दितात, "कथिका म्हळ्यार कथा वा लघुतम कथा न्हय. एक अशें कथाबीज ज्यातूंतल्यान एक समर्थ कथा किल्लूं येताली. पूण कथाबीज तितलें वाचकांच्या मनांत रोयलें म्हण्टकच लेखकाचें काम सोंपता. वाचकाचें व्यक्तीमत्व, ताजें अणभवविश्व, ताज्यो संवेदना, ताजी कल्पकताय हांचेर त्या बियांचो फुडार आदारिल्लो उरता."[17]

कथिका म्हणल्यार एके कथेचें आंग वा बीज आशिल्लो कथा साहित्य प्रकार. तशेंच तिका प्रारंभ आसपाक जाय वा अंत आसपाक जाय हाका म्हत्व ना. एकाद्र्या सामको साद्या

वा ल्हानशा प्रसंगाक वा घडणुकेक म्हत्व दिल्लें आसता आनी ते मोजक्याच उतरांनी मांडिल्ले आसतात.

चंद्रकांत केणींच्या कथिका ह्या साहित्य प्रकाराचेर कांय जाण आरोप करतात. हे विशीं सांगता आसतना सुरेश काकोडकार (1992 वर्सा) अशें म्हणटात, “कांय समिक्षकांनी त्यो कथाच न्हय अशी तांचेर कांय टिका केली आनी लेखकान हुतहुतेपणान एक बरो कथाविशय चाबडावन वाट लायलो असो आरोपूय जालो. आजून श्री. केणी अर्दी मर्दी कथिका बरयत आसतात. कांय हेर भासांनी अणकारल्यात. हेर भासांतल्या वाचप्यांनी त्यो वाखाणल्यात. कोंकणींत आजून ह्या कथिकाक येवकार दिवपी वाचक ना. पूण लेखक निर्शेवंक ना. ‘टनांनी माती खणतकच कणांनी भांगर मेळटा’ तशें म्हजे अखंड साहित्य साधनेंतल्यान एकाद्रें बरप केन्ना ना केन्ना तरी वाचप्यांक मानवतलें असो म्हाका भरवंसो दिसता अशें ते म्हणटात.”[18]

पूण कोंकणी कथिकेक वाचप्यांनी बरो येवकार दिलो देखून ‘मेघ मल्हार’ (1994) ह्या संग्रहांतले ‘कथिके विशीं’ माथाळ्याचे प्रस्तावनेंत चंद्रकांत केणी बरयतात, “कांय कथिकांचो एक संग्रह ह्या आदीं हांवें उजवाडायलो आनी त्या संग्रहाक रसीक वाचकांनी बरो येवकार दिलो. त्या अणभवाक लागून हो दुसरो संग्रह उजवाडावपाची प्रेरणा म्हाका मेळूंक पावली.”[19]

चंद्रकांत केणी तांचो कथिका हो साहित्य प्रकार कोंकणींतल्यान हिंदी साहित्य प्रवास करपाक जाय ह्या मताचे आसले. ह्या संबंदान मोहनदास सुर्लकार म्हणटात, “कथिका नांवाचो प्रकार तांणी कोंकणी साहित्यांत हाडलो. कथिका हो प्रकार कोंकणी साहित्याक तांची मोलाची देणगी अशें हांव समजतां. केणीबाब पुस्तक उजवाडा आयलें की ताची एक प्रत म्हाका भेट म्हूण दिताले. कथिका प्रकाशीत जातकच तांची एक प्रत म्हाका दिली. तांची इत्सा आशिल्ली की ही कथिका हिंदींत येवची अशी म्हूण.”[20]

कथा ह्या साहित्यप्रकाराच्या फुडारा विशीं उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “(कथा) ह्या साहित्य प्रकाराक बरो फुडार आसा हे विशीं म्हज्या मनांत दुबाव ना. नव्या

युगाची कथा कशी आसतली असो जेन्ना हांव विचार करतां तेन्ना ‘कथिका’ हेंच कथेचें युगानुरूप स्वरूप अशें म्हाका दिसूंक लागता.”[21]

चंद्रकांत केणी कथिका साहित्यप्रकाराक बरो फुडार आसा अशें म्हणटात, तातूंत कोंकणी कथा साहित्यांत तांच्या कथिका ह्या साहित्यप्रकाराचें खाशेलें अशें योगदान आसा. बरोवप्याक एके बसकेंत बरोवंक जाता तशेंच वाचप्याक लेगीत एकेच बसकेंत ती वाचपाक जाता. तरी आसतना जे तरेन चंद्रकांत केणींनी कोंकणी साहित्यांत कथिका हो कथा साहित्य प्रकार सातत्त्यान बरोवन कोंकणी कथिका केळयल्या तशी कोंकणींतल्या हेर कथाकारांनी तिका केळयिल्ली दिश्टी पडना. कांय बरोवप्यांनी ती वेंचीक तरेन केळयिल्ली दिश्टी पडटा. पूण ती पत्रकांनी शिंपडून पडिल्ली आसा. मोजक्याच बरोवप्यांनी ती वेंचीक तरेन बरयल्या.

बरोवप्यान कथिका तितल्या उत्स्फुर्तपणान कित्याक बरोवंक ना, हे विशीं माया अनिल खरंगटे सांगतात, “बरोवंक वेळ ना म्हणपी लेखकांक हो प्रकार बरो. बसकेंत कथा बरोवनय जाता आनी वाचुंकूय वेळ लागना. पूण ह्यो बरोवप तशें सोंपें न्हय. कमींत कमी उतरांनी कथा तिच्या सगळ्या चड-उतारां सयत, मीठ-मसाल्या सकट येवंक जाय. जाल्यारच ती कथिका.”[22]

चंद्रकांत केणींच्यो कांय कथिका अणकारीत जावन हेर भासांनी पावल्यात. तातूंत ‘रिकामी फास्की’ ही 1993 वर्सा प्रकाशीत जाल्ल्या कथिका संग्रहांतली कथिका आसा. जी इंग्लेज भाशेंत अणकार जावन मनोहर शेट संपादीत ‘ferry cross’ ह्या संग्रहांत ‘the blank space’ ह्या नांवान संग्रहीत जाली.

“साद्या साद्या घडणुकांक तांणी कथिकांचें सुंदर रूप दिलें.” अशें रमेश वेळुस्कार म्हणटात.[23] कथा ह्या साहित्यप्रकाराच्या मळार चंद्रकांत केणींनी जें खाशेलें योगदान दिलां तातूंत कथिका हो एक.

कथिका ह्या कथा साहित्य प्रकाराच्या मळार ‘कथिका’ हो संग्रह 1993 वर्सा मेळटा. उपरांत 1994 वर्सा ‘मेघ मल्हार’ हो तांचो दुसरो कथिका संग्रह. तरी ‘दवा थेंब’ हो तांणीच संपादीत केल्लो कथिका संग्रह मेळटा. हो दोन भागांनी आसा. एका भागांत रवीन्द्रनाथ

टागोर हांची अणकारीत कथिका मेळटा जाल्यार दुसऱ्या भागांत चंद्रकांत केणींच्यो आठ कथिका तातूंत आसपावतात.

**निश्कर्शः**

निश्कर्श स्वरुपांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्यांत कथिका हो कथा साहित्य प्रकार हाडलो. देखून एक कथाकार म्हूण हें तांचें खाशेलें योगदान अशें म्हणपाक जाता. आनी देखुनूच कोंकणी कथिकेच्या मळार चंद्रकांत केणी के कथिकेचे जनक अशें मुजरत म्हणन दिसता.

***

## संदर्भः


1. Altern Lyn N. and Bernd Altern, (संपादक), introduction to literature : stories, poem, play. the macmillan company, second edition; 1963, पान क्र. 2.
2. केणी, चंद्रकांत, तरेतरेचीं संवगां, सोबीत साहित्य, पणजी - गोंय, 1973. पान, क्र. प्रस्तावना.
3. ..... जाग, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, पान क्र. 1.
4. ..... कोंकणी, चवथ अंक 2009, पान क्र. 19, लेखः पुनरुत्थानपर्वाचो कथाशिल्प, करमली, नागेश.
5. Sen, Sukumar. History of Bengali literature. sahitya Akademic; 1979, पान क्र. 262.
6. केणी, चंद्रकांत (संपादक), दवा थेंब, कुळागर प्रकाशन, मडगांव - गोंय; 2007, पान क्र. 20
7. टागोर, रवीन्द्रनाथ, कण्ठमणी, अणकारः बोरकार, बाळकृष्ण भ. जाग प्रकाशन, प्रियोळ - गोंय; 1996, पान क्र. प्रस्तावना.
8. केणी, चंद्रकांत, मुलाखत (भासाभास).
9. केणी, चंद्रकांत, मुलाखत (भासाभास).
10. ....... जाग, फेब्रुवारी, 2009, पान क्र. 7, लेखः एका इश्टाची कथा, म्हांबरो, अ. ना.
11. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाध्याय, कुळागर प्रकाशन, मडगांव - गोंय, 1996, पान क्र. 82.
12. ....... जैत, दिवाळी अंक, 2009, पान क्र. 7.
13. ....... कुळागर, डिसेंबर, 1992, पान क्र. संपादक (कथिका विशेषांक).

14. .......कोंकणी, चवथ अंक, 2009, पान क्र. 24, लेखः कथाकांतः मावजो, दामोदर.

15. केणी, चंद्रकांत, कथिका, कुळागर प्रकाशन, मडगांव - गोंय, 1993, पान क्र. प्रस्तावना.

16. केणी, चंद्रकांत, मेघ मल्हार, चंद्रकांत केणी सत्कार समितीचें प्रकाशन, मडगांव - गोंय, 1994, पान क्र. 6.

17. .......कोंकणी टायम्स, दिवाळी अंक, 2001, पान क्र. 13, लेखः म्हजी साहित्य साधना, केणी, चंद्रकांत.

18. ....... कुळागर, डिसेंबर, 1992, पान क्र. संपादक (कथिका विशेषांक).

19. केणी, चंद्रकांत, मेघ मल्हार, चंद्रकांत केणी सत्कार समितीचें प्रकाशन, मडगांव - गोंय; 1994, पान क्र. 6.

20. .......कोंकणी, चवथ अंक, 2009, पान क्र. 74, लेखः मृत्युंजयी, चंद्रकांतबाब केणीः सुर्लकार, मोहनदास.

21. केणी, चंद्रकांत, मेघ मल्हार, चंद्रकांत केणी सत्कार समितीचें प्रकाशन, मडगांव - गोंय; 1994, पान क्र. 6.

22. ....... जैत, दिवाळी अंक, 2009, पान क्र. 70, लेखः कथाकार चंद्रकांत केणी, खरंगटे, माया अनिल.

23. .......कोंकणी, चवथ अंक, 2009, पान क्र. 28, लेखः चंद्रकांतबाब, वेळुस्कार, रमेश भगवंत.

# 5. भास आनी शैली

## 5.1 भास

## 5.2 शैली

## 5.1 भास

“भास हें विचारांचे साधन आसता. भाशेचो वापर निश्काळजीपणान करप म्हणल्यार विचारांचो वापर निश्काळजीपणान करप.” अशें भाशे संबंदी अलॅक्सी टॉलस्टोय आपलें मत दिता.[1]

“मानवी जिवीतांत भाशेचें स्थान चड म्हत्वाचें आसता.” अशें डॉ. कल्याण काळे म्हणटात.[2] भास ही आमच्या विचारंच्या अभिव्यक्तीचें माध्यम आसता. मनीस अनुभुतीचे विचार मनांतल्यान करता पूण ही अनुभुती अभिव्यक्त करपा खातीर ताका भाशेचें माध्यम गरजेचें थारता. देखून भास ही अभिव्यक्त करपाक मनशाचें एक म्हत्वाचें साधन आसा. भास ही मनशाच्यो भावना आनी अणभव व्यक्त करपाचें म्हत्वाचें साधन थारता, देखून भास साहित्याचो मूळ आदार आसता.

भाशेचे साधनेचें म्हत्व सांगता आसतना प्रा. वसंत गोविंद लवंदे म्हणटात, “मनीस हो चिंतनशील प्राणी. विचार करप, चिंतन करप, सृश्टीचें गूढ सोदून काडपाचो यत्न करप हीं मनशाचीं लक्षणां मानतात. पूण ताका जर उलोवंक येना आसत, म्हळयार भाशेचो उपेग जर ताका करूंक येना आसत, तर विचार करप, उण्यात उणे सुसंगत विचार करप ताका शक्य जावचें ना. कारण भास हें फकत विचार विनिमयाचें साधन न्हय तर विचार करपाचें साधन जावन आसा.”[3]

राजेंद्र यादव भाशे संबंदांत अशें मानतात, “लेखक कथा वा ताच्या रुपा वांगडा प्रयोग करीत वता..., हें तो (लेखक) आपल्या युगा प्रमाणें करत वता, प्रयोगशीलताय हें तांच्यांत जिवीत आसपाचें सगल्यांत व्हडलें प्रमाण वा परिणाम आसता.”[4] दर एकल्याक बरोवपाची अशी खाशेली भास आसता. देखून एकाच युगांतल्या, एकाच काळांतल्या दोन बरोवप्यांची भास वेगळी जाता. हें वेगळेपण म्हणल्यार त्या त्या बरोवप्याचीं आपलीं खाशेलपणां आसतात.

कोंकणी कथा साहित्यांत चंद्रकांत केणींनी आतां मेरेन कितल्योश्योच कथा बरयल्यात. कांय जाण अशें मानतात की तांणी सुमार देड-दोन हजार कथा कोंकणींत बरयल्यात.[5]

कोंकणी कथा साहित्याच्या ह्या शिल्पीची ही भास. ह्या संबंदान चंद्रकांत केणी लेगीत अशें म्हणटात, "जिणेंत जें पळयलें, आयकलें, अणभवलें वा वाचलें ताचीं पडबिंबां म्हज्या मनाच्या हारशांत पडत रावलो. तांचीं शब्द चित्रां करपाचो यत्न हांव करता."[6] जाका लागून कथाकाराक कथा बरोवपा खातीर केन्ना कल्पना करची गरज जाली नासतली. सादी आनी सरळ भास. तांचें विराट कथा साहित्य वाचता आसतना वाचप्यांक शब्दकोश उगडपाची गरज केन्ना पडना. तांच्या कथांनी येवपी ह्यो व्यक्ती म्हणल्यार सर्वसामान्य अश्यो. जांकां तांणी चड लागीं सावन पळयल्यात, अशें वाचप्यांक दिसता.

चंद्रकांत केणी आपल्यो चडशो कथा प्रथम पुरुशी वा आत्मकथनात्मक शैलेंत बरयतात. बरोवपाची ही पद्दत म्हणल्यार चड घोस्ताची आसली. देखून तांच्यो कथा वाचता आसतना तांचे जिणेंतलो एकाद्रो व्यक्तीगत अणभव सांगता काय कितें अशें वाचप्यांक कथा वाचतना दिसता.

कथा साहित्यांत भास ही म्हत्वाची आसता. कथा साहित्यांतली भास कशी आसची हे संबंदान दामोदर मावजो म्हणटात, "कथा हो लळीत साहित्याचो एक प्रकार जाल्ल्यान कथेची भासूय लळीत आसूंक फावो. ती चालंत आनी प्रवाहीत आसूंक जाय. गरजे भायर अलंकृत भास उपकारायली जाल्यार वाचप्यालें लक्ष भाशेचेर केंद्रीत जावन कथेचो येवजिल्लो परिणाम सादप कठीण जावं येता. तशीच संवादाची भास ही पात्रानुरूप आसपाचेर लेखकान चत्राय धरूंक जाय."[7]

तशेंच चंद्रकांत केणींची भाशीक वाक्य रचना सादी आनी सरळ आसता. तातूंत मोजकींच उतरां आनी मोजकींच वाक्यां. पूण तांचे कथेंत भोवभाशीक उतरावळ मेळटा. तातूंत हिंदी, मराठी, इंग्लेजी वांगडाच उर्दू, पुर्तुगेझ उतरावळ लेगीत कांय कडेन मेळटा. पूण ही सगळी उतरावळ कोंकणीचें आपलें नीजपण घेवन येता.

ह्या संबंदान दामोदर म्हावजे अशें म्हणटात, “पूण भास घडटा अशे पिरायेचेर ते गोंयां भायर पावले. भाशेचेर आंतरभारतीय संस्कार जावंक लागले. हिंदी, मराठी, इंग्लीज ह्या भासांतल्यान वाचप-उलोवप जालें. ताचो पोशक परिणाम केणीबाबांचे कोंकणी भाशेचेर जालो. तांची कोंकणी आंतरभारतीय जाली. हेर भारतीय भासांनी वापरतात तीं समान उतरां आनी कोंकणी भाशेच्या सभावा कडेन जुळटात अशीं उतरां घेवन तांणी साहित्य रचलें. अशें करतना कांय कडेन, भोव करून क्रिस्तांव पात्रांच्या संवादां कडेन पावतकच तांची भास अडेची कशी दिसताली इतलें खरें. पूण घडये वाचपाचे प्रक्रियेंत थळावी बोलीभास आडखळ हाडटा हो कांय वाचकांचो अणभव लक्षांत घेवन, संवाद सुटसुटीत जावचे ह्या हेतूनच ते तशें करताले जावं येत.”[8]

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत वापरिल्ले भाशे विशीं उलयता आसतना दामोदर मावजो म्हणटात की, कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी येवपी क्रिस्तांव पात्रांच्या तोंडांतले संवाद थळावे बोली भाशेंत येनात. पूण हांगा दोन कथांचो आडवाद आसा. पयली कथा म्हणल्यार ‘पयलो सेरमांव’ हातूंत जो फिलूचो संवाद येता तो थळावे भाशेंतल्यान येता. देखून “तूं व्हड जा आनी गोंयचें नांव वयर काड. पूण जाणा जा,मनशाची व्हडवीक आसता ती आपल्या लोकांची सेवा करपांत. भायर तुका व्हड व्हड मेदाली मेळटीत पूण ही असली मायेमोगाची खेंव मेळचिना. तूं पाद्री जाता हें बेस बरें ! लोकांक बरी देख दी. तांकां आयज तांच्या निजाचें भान ना. तांकां तांचे नीज कितलें गिरेस्त तें दाखोवन दी. जाणा मरे कामील !”[9] तर ‘अबुद्ध मोग’ हे कथेंत निमणे कडेन जो सांतान रेंदेर ह्या क्रिस्तांव पात्रांच्या तोंडांतल्यान येता ते थळावे बोली भाशेंत संवादाचें म्हूण एकूच वाक्य उकतें करता तें पुराय कथेंत म्हत्वाचें थारता. देखीक, ‘माडावेल्या सांतान रेंदेरान शिळोण घालून विघ्न हाडलें’ “बरो मोग कोत्ताय मुरे तुमी !” ताणें साद घालो.’[10] देखून अशें म्हणचें पडटा की चंद्रकांत केणींनी ह्या दोनांच कथांनी कांय क्रिस्तांव पात्रांच्या तोंडांतल्यान बोली भास येता. पूण हो प्रयोग तांणी आपल्या सुरवातीच्या काळांत बरयिल्ल्या कांय कथांनी केला. ह्या दोन कथांचो आडवाद सोडलो जाल्यार चंद्रकांत केणींनी हेर कथांतल्या क्रिस्तांव पात्रांच्या तोंडांतल्यान

बोली भाशेचो वापर करूंक ना. देखून हीं क्रिस्तांव पात्रां जेन्ना कथेंत येतात तेन्ना तांच्या संवादांनी येवपी भास अडेची अशी दिसता.

'भास' ही विचारांचें माध्यम आसता. जातूंत व्यक्ती आपल्या व्यक्तीगत अणभवांच्या विचारांचें आदान-प्रदान करता. कथा साहित्यांतली साहित्यीक भास ही सादी आनी सरळ आसची अशें चंद्रकांत केणींचें मत आसलें. देखून पुंडलीक नायक सारक्या कथाकारांनी कोंकणी कथा कठीण केली अशें ते म्हणटाले.[11] कोंकणी कथा ही कठीण जावची न्हय देखून तांणी कोंकणी कथेंत सादी आनी सरळ भास वापरल्या. जाका लागून तांचे भाशेची तुळा ह्या कोंकणी कथाकारां कडेन केली जाल्यार तांचे भाशेंत चमक-दमक मेळना. तांचीं चडशीं पात्रां हीं मध्यमवर्गी समाजांतल्यान येतात. पूण चडशा कथांनी पात्रां आनी प्रसंगां प्रमाणे बदल जायनात. देखून कथाकार दामोदर मावज्यांनी म्हणिल्लें प्रमाणें कांय कडेन भास अडेचीशी दिसता. पूण तरी आसतना तांचे भाशेंतली एकेक शब्दरचना इतली नकसूदपणान जाल्ली आसता की वाक्यांतलो एकाद्रो शब्द हांगा थंय केलो जाल्यार वाक्य अपंगूळ जाल्ले वरी जाता. देखून तांचे कथेंतली भास ही जिवी आनी तेंच तांचे भाशेचें वैशिश्ठ थारता.

एके कडेन भाशे संबंदींत विचार अभिव्यक्त करतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, "'साहित्य' हें उतर सुचयता ते भाशें जें जिणे सयत वता तें साहित्य अशें आमच्यांनी म्हणूं येता. जनावरांचे योनींतल्यान मनीसजातीची उत्क्रांती घडसर प्रकृतीच काम करताली आनी जनावरांक जी सभावीक आसता ती विकृतीय यचेच्छ आसली. मनीस घडलो आनी ल्हवु ल्हवु आपले हात आनी आपले भाशे वरवीं ताणें संस्कृती केळोवंक आरंभ केलो. अशे तरेन मनशाक मनीसपण दिवपी दोन गजाली म्हळ्यार हात आनी भास.... साहित्य म्हळ्यार जिणेचें पडबिंब. जिणेचीं सुखां-दुखां, उमेद आनी निराशा, मोग आनी मंत्सर, ओड आनी तिरस्कार, भंय आनी धिटाय हांचें एक खतखतें. हें सगळें मनशान काळजांत अणभवलें, बुद्दीच्या कसाचेर तिजयलें आनी आपले भाशेंतल्यान उकतायलें."[12]

आनी एके कडेन चंद्रकांत केणी भाशेच्या वापरा संबंदान अशें म्हणटात, "शब्दकोशांत हजारांनी उतरां आसतात. दर एका उतराक ताचो खाशेलो असो एक अर्थ

आसात. एकाद्रो कवी तांतलीं पांच-पंचवीस उतरां वेगळीं काडटा आनी तीं अशे तरेन रचता की त्या उतरांच्या सुमेळांतल्यान एक नवें भावविश्व तयार जाता. कवी उतरां निर्माण करिना. घोळणुकेंतलींच तीं उतरां. शब्दकोशांत निर्जीव आसतात. कवी तांची अशे तरेन रचणूक करता की त्या उतरांक जीव तर येताच, पूण तातूंतलें ब्रह्मय उक्तें जाता. दर एका उतराक जसो अर्थ आसता तशे ताल, नाद, आनी सूर आसतात. ताल, नाद, आनी सूरांच्या सुमेळांतल्यान एक नवो अर्थ जेन्ना तीं उतरां उक्तो करतात तेन्ना कविता जाता. निखट्या उतरांचे पुंजेले म्हळ्यार कविता न्हय. तशें आसली जाल्यार शब्दकोश हे म्हाकव्य जावपाचे. कवीक एक विचार, एक चित्र उतरांनी उक्तावपाचें आसता... कथा हो साहित्य प्रकारय अशेच तरेचो आसता."[13]

भास ही मनशाची भोव म्हत्वाची वस्तू. सगळ्यांत पोरणी, सगळ्यांत व्हड आनी विंगड विंगड संस्कृतींची गवाय दिवपी अशी आसता. भाशे बगर मनशाचे जिणेचें पान हालना. देखून हिंदी साहित्यांतले कथाकार अज्ञेय भाशे विशीं विचार अभिव्यक्त करता आसतना म्हणटात, "आमी आमचे भाशेचे गुलाम आसात."[14]

चंद्रकांत केणी जरी भौभाशीक आसले तरी तांकां कोंकणी भाशेचो मोग आसलो तो तांच्या "धर्तरी अजून जियेताली" ह्या संग्रहांतले एके कथेंत दिश्टी पडटा. 'पयलो शेरमांव' हातूंत फिलून कामीला कडेन केल्ल्या संवादांत तो दिसता. फिलू ह्या पात्राच्या माध्यमांतल्यान चंद्रकांत केणी आपली कोंकणी भाशे संबंदींत खंत उकती करता ती अशी, फिलूक दिसता की, "... पूण आतांचे भुरगे दोन फिंरगी क्लासी शिकले म्हणटकूच तरकारी कशी ती भास कातरतात आनी आपणाली भास उलोवंक लजेतात हें पळोवन फिलू खेदिश्ट जातालें." देखून फुडें कथेंत फिलू कामीलाक सांगता, "तूं शीक आनी व्हड मनीस जा, जाणा मरे कामील. पूण आपलें नीज विसरूं नाका. हें गोंय, हे माड, हांगासल्ल्या दर्याचीं ल्हारां, रात दीस पोय जागतात तसो तूं आपल्या देसाचे आनी भाशेचे आनी भावांचे राखणे खातीर जागरूक राव."[15]

फुडें 'व्हंकल पावणी' हातूंत चंद्रकांत केणी कोंकणी भाशे संबंदान एक विचार उक्तो करता तो असो, "गोंया भायर, चड करून भायल्या देसांनी रावन आयिल्ले गोंयकार आपणाक कोंकणी येना अशे तरेन इंग्लेज उलयतात. तें हांव सदां पळेतालों."[16]

कथेक स्थायीक रूप येवपा खातीर एकाद्रे प्रादेशीक भाशेचो वा उतरांचो वापर कथाकार चंद्रकांत केणी कथेंत करतात. 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत कथाकार चंद्रकांत केणींनी असले भाशेचो प्रयोग केल्लो मेळटा. हातूंत गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतले भाशेचो प्रयोग केला देखून 'पयलो शेरमांव' हातूंत फिलू उलयता. "तुका कोणेंय उबारून व्हेलो जाल्यार तुज्या मांय-पायाक कितें दिसूंक फावो, कामील." फुडें फिलू म्हणटा, "तूं व्हड जा आनी गोंयचें नांव वयर काड. पूण जाणा जा, मनशाची व्हडवीक आसता ती आपल्या लोकांची सेवा करपांत. भायर तुका व्हड मदाली मेळटीत पूण ही असली मायेमोगाची खेंव मेळचीना. तूं पाद्री जाता हें बेस बरें! लोकाक बरी देख दी. तांकां आयज तांच्या निजाचें भान ना. तांकां तांचें नीज कितलें गिरेस्त तें दाखोवन दी, जाणा मरे कामील!"[17]

ह्या संग्रहांत 'दिवली' हे कथेंत नायक सांतानाक सांगता, "सांतान वच. आज बरें कोप मारून यो. म्हाका लेगीत घेवंक जाय तुजे बरोबर."[18] फुडें 'अळमी' ह्या कथा संग्रहांत चंद्रकांत केणींनी भाशे संबंदान असलो एक प्रयोग केल्लो 'अबुद्द मोग' हातूंत दिसता. जायूचे छातयेर तकली दवरून राविल्ल्या देवूक पळोवन माडा वयल्यान रेंदेर तांकां असो उलो मारता, "बरो मोग कोत्ताय मुरे तुमी!"[19]

चंद्रकांत केणी हे भौभाशीक आशिल्ल्या कारणान त्यांच्या कथांनी ह्या भासांचो प्रयोग मेळटा. तांच्या कांय कथांनी हिंदी भाशेचो वापर केल्लो दिसता. देखीक: 'काश्मिरांतली कळी' हे कथेंत आयिल्लो हो संवाद:

> "बाबूजी, आप बम्बईकी तरफ से आये है क्या?" शिकारा चलयतल्यान म्हाका विचारल्लें.
>
> "हां भाई, क्यों पूछा?"

"सुना है वहाँ फिल्में बनानेवाली बहुतसी कंपनियाँ हैं." हां. आनी मागीर हांसून म्हळें, "हमारी गोरी की भर्ती फिल्म में कर सकोगे क्या?"

फुडें वचून हेच कथेंत संवाद हिंदींतल्यान येता तो असो:

"भगवान की कसम बाबूजी, यहाँ हमारे लोगों के बीच कोई झगडा नहीं, झगडा तो सरकारों के बीच है, ...

...

भगवान की कृपा है साब!"[20]

कथा प्रभावशील जावपा खातीर, केन्ना वास्तव स्थिती दाखोवपा खातीर कथेंत कथाकार हेर भौवभाशीक संवाद वा उतरावळींचो वापर करता. तशेच संवाद प्रत्यक्ष वाचप्यांच्या दोळ्यां मुखार हाडपा खातीर असले संवाद कथेंत हाडटा. देखून 'विसंगत' हे कथेंतलो हो संवाद:

"बाबूजी, पानी पियेंगे?"

"बारीश में पानी कौन पियेगा भला?"

"मुफत में पी लीजीये... कुछ पैसा देनेका है नहीं, बाबूजी."[21]

अशेच तरेचे संवाद 'मिस् डायना डिसूझा' हे कथेंत दिश्टी पडटात. जेन्ना नायक केळ्याचे साली वयल्यान निसरून डायनाचेर पडटा तेन्ना त्या प्रसंगाक धरून जो हिंदी संवाद येता तो असो:

"अरे छोड बे, ... इसकी जैसी लाखों लडकियाँ है इस बम्बई में."

"जबान संभाल के बात करो."[22]

तशेंच कथेंत वस्तवीक स्वरूप दाखोवपा खातीर कथाकार चंद्रकांत केणींनी इंग्लेज भाशेचोय वापर केल्लो दिसता. देख घेवची जाल्यार 'ओलीं पाखां' हे कथेंत इंग्लेज फॅरी कथेचो उल्लेख करता आसतना कथाकार तो इंग्लेज भाशेंतल्यान दिता. देखीक, "देअर वॉज अ फॅरी...."[23] तर 'मिस् डायना डिसूझा' कथेंत लोकांचे गर्दे पसून पयस वचपा खातीर नायक डायनाक इंग्लेज भाशेंतल्यान सांगता, "धीस वे प्लीज."[24]

'म्हाळू पै' ही कथा गोंयचे पुर्तुगेझ राजकी परिस्थितीचेर उजवाड घालता. गोंयांत पुर्तुगेझ काळार पुर्तुगेझ भास चालीक आशिल्ली आनी पुर्तुगेझ मनशा कडेन पुर्तुगेझींतल्यानूच उलोवपाची सक्ती आशिल्ल्याचें दिसून येता. चंद्रकांत केणी हे पुर्तुगेझ भाशेचे जाणकार आशिल्ले देखून तांचे कथेंत पुर्तुगेझ (रोमी) भाशेंतल्यान म्हाळू पै आनी एका पुर्तुगेझ खापऱ्याचो संवाद आयला तो असो:

खापरी म्हाळू पैक विचारता, " *Eh ! voce quem ? Qui faz aqui ?*"

तेन्ना ताच्या प्रश्नाक म्हाळू पै जाप दिता, " *Eu commerciante*, *esta minha casa*, *esta urinar*."

तेन्ना खापरी हांसून म्हणटा, " *Va va*"[25]

## वाक्य रचना

"वाक्य म्हणल्यार पुराय अर्थ उकतो करपी एक उतरां पुंजो." अशी वाक्याची परिभाशा सुरेश जयवंत बोरकार दितात.[26] कथेंतलें एक वाक्य म्हणल्यार कथाकाराची विचार उकते करपाची अनुभुती.

कथाकार आपले विचार वाक्यांतल्यान उकते करता आनी आपले विचार वाक्याच्या माध्यमांतल्यान वाचप्यां मेरेन पावयता. देखून कथाकारा खातीर वाक्य हें वाचप्या कडेन संवाद सादपाचें मुखेल माध्यम कशें जाता. हे संबंदीत एक मत मेळटा तें अशें, "*Sentences are basic building block of communication between writer and reader*. *Word in and of themselves lack direction; sentences give our language a place to go*, *work to do*."[27] देखून वाक्य हें विचार उकते करपाचें भाशेचें म्हत्वाचें साधन जाता.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांनी येवपी वाक्यां हीं चड करून ल्हान ल्हान आसतात. तातूंत तीं सादीं आनी सरळ अशीं, पूण तातूंत जोखतींच उतरां आसतात. तांचे वाक्यरचने संबंदीं योगिनी आचार्य अशें म्हणटात, "चंद्रकांत बाबांची भास सामकी सोंपी

आनी सादी. सहज कोणाकूय समजुची अशी. जड उतरां वा वाक्यां वापरिनासतना चंद्रकांतनबाब वाचप्यांक जिणेचें तत्वगिन्यान कथे वरवीं समजायताले."[28]

तांच्या कांय कथांनी आयिल्ल्या वाक्यांची देख घेवन पळोवया. 'मेकळीक' कथा हातूंत - "वामन कोण हें ताणें विचारल्लें ना हे आर्दीय सतीश, दामोदर, शंकर येवन गेल्ले. ते कोण म्हणपाचेंय केन्ना विचारूंक नाशिल्लें. ताणें तोंडांतल्यान एकूय उतर काडलें ना. ते उठून मानन्यांत गेलें"[29] तांच्या साद्या आनी सरळ वाक्याची देख घेवं येता, "हांवें हांसत बोल्सांत हात घालो. हाताक लागली शंभरांची नोट. सगळें बोल्स सांसपिलें.... ल्हान नोटूच ना. मोड आशिल्ली सगळी व्हदळ त्या भुरग्याक दिल्ली. हांवें नोट काडून रुक्मिणीच्या हातांत दिली"[30]

चंद्रकांत केणींच्या कथांनी वर्णनात्मक वाक्यां मेळटात. कथेंत येवपी पात्रांचो ते नियाळ घेतात. कथाकार चंद्रकांत केणी केन्ना केन्ना वर्णन करता आसतना एक फिशाल चित्रकार जातात आनी हातांत पिशोल घेवन चेऱ्याचेर बनावट तयार करतात अशें दिसता. तें करता आसतना बारीक रेशेचो लेगीत विचार करतात. देखून दामोदर नरसिंह नायक म्हणटात, "...एकेका वाक्यांतल्यान एक एक व्यक्तितत्व वा चित्र दोळ्यां मुखार उबें रावता, जाची याद खूब दिसां मेरेन वाचकांच्या मनांत उरता."[31] देखीक, 'पोस्ट मॉर्टम' हातूंत आयिल्ल्या मिनाक्षीचें वर्णन करतना कथाकार हीं वाक्यां वापरता.

"नाय जाल्यार चार चौगांत ती नदरेंत भरपाचीच. गंवा रंगाची गोरसाण आनी कोरीव शिल्पकारी आंगलोट. नांवावरी चकचकीत दोळे. ..... हांसतना गालाक खळयो पडटाल्यो आनी धवे फुल्ल दांत ल्हारांवरी चकचकताले. फुडल्यान घेतिल्ली लांब केसांची फांती तिजे छातये वयल्यान जमनीर पाविल्ली.... गुलाबी साडी आनी मॅचिंग ब्लावज दिव्यांच्या उजवाडान तिगेलें रूप उजळायताले. तीय खीणभर नदर थिरावन ताका पळेत राविल्ली."[32]

ह्या संग्रहांत फुडें वचून ते 'मिस् डायना डिसूझा' हे व्यक्तीचें वर्णन करता आसतना अशा तरांचीं वर्णनात्मक वाक्यां वापरता. जाका लागून मिस् डायना डिसूझा वाचप्यां मुखार सरळ उबी रावता. तीं अशीं, "आंगभर साडी. मानेर लांब सळसळीत रसमी केंस. फूल

स्लिवजाचे ब्लावज. साडयेच्या रंगाक मॅचिंग असो. गळ्यांत भांगराची बारीक सरपळी आनी तिका भांगराचो खुरीस. सरपळी ब्लावजा वयल्यान भायर काडिल्ली. कानांत दोन रिंगां. नाकांत कांय ना. कपलाक कांय ना. दाव्या हाताक एक घडयाळ आनी उजव्या हातांत चकचकीत कडें, दोळ्यांक गॉगल्स....”[33]

चंद्रकांत केणी आपल्या कथांनी सुक्ष्मनिरिक्षण करतात आनी तें करता आसतना साद्या, सोंप्या आनी जोखत्याच उतरांनी करतात. असलीं वर्णनां तीच व्यक्ती करपाक शकता जाणें ते व्यक्तीक लागीं सावन पळयल्या आसतली. तशेंच वर्णनात्मक वाक्यां वापरून चंद्रकांत केणी व्यक्ती उबी करतात. देखून, “‘सदाशीव’ हें नांव घेवन पळेलें जाल्यार जण एका मनशाचे नदरे मुखार विंगड विंगड आकृत्यो उबी रावतली. आनी त्या नांवाचो वळखीचो मनीस नासलो जाल्यार पुडवें-खोमीस, वयर कोट आनी माथ्याक काळी तोपी, पांयांत चरचरता असलें चामड्याचें जोतें आनी तोंडांत घडये विडी ... सांगपाचें म्हळ्यार, दर एका नांवाची गांठ एकां चित्रा कडेन बांदिल्ली उरता. ताजो रंग, रूप, यादी, हावेस, सगळें सगळें .... !”[34]

फेस-रिडिंगांत कथाकार चंद्रकांत केणींचें विचारूक नाका. तांच्या दोळ्यांतल्यान चरित्राच्यो ल्हान सान गजाली लेगीत सुटनात. हें ते मोजक्याच वाक्यांतल्यान करतात. देखीक, ‘रीना जोझेफ’ हे कथेंत कथाकार रीना रडटकच ताच्या तोंडाचें वर्णन अशें करता, “लेसान दोळे पुसले. पोल्यांचेर गळिल्लीं दुकांय पुसलीं. त्या बरोबर तिजो मेकअपय पुसलो. पूण तरीय ती सुंदर दिसताली.”[35]

चंद्रकांत केणी हे भौभाशीक आसताले. देखून तांच्या कथांनी भौभाशीक वाक्यां मेळटात. तातूंत पुर्तुगेझ, इंग्लेज, हिंदी हीं मुखेल आसात. केन्ना केन्ना पुर्तुगेझ आनी इंग्लेज वाक्यां देवनागरींत येतात जाल्यार कांय कडेन रोमी लिपींत लेगीत येतात. तांच्या कथांनी मेळपी कांय इंग्लेज, पुर्तुगेझ, हिंदी वाक्यां अशीं आसात,

**<u>इंग्लेज वाक्यां रोमी लिपींत:</u>**

- one man’s meat is another man’s poison.[36]

**इंग्लेज वाक्यां देवनागरींत**

- * देअर वॉज ए फॅरी.
- * धीस वे प्लीज.
- * यू इडियट.
- * ए स्विटी, होल्ड युवर टंग
- * मोस्ट एलीजीबल बॅचलर.
- * डार्लींग... व्ही आर गेटींग मॅरीड.
- * आय एम् सोरी .... लुसी. [37]

**पुर्तगेझ वाक्यां रोमी लिपींत**

- * *Eh ! voce, quem ? qui faz aqui ?*
- * *Eu comerciante, esta minha casa, esta urinar.*
- * *Vava.*

**पुर्तगेझ वाक्यां देवनागरी लिपींत**

ए राव्ह ![38]

**हिंदी वाक्यां मेळटात तातूंत कांय अशीं**

- * बाबूजी, पानी पियेंगे?
- * बारीश में पानी कौन पियेगा भला?
- * मुफत में पी लीजिये ... कुछ पैसा देनेका है नही, बाबूजी।
- * आज मौसम बहुत खराब है। सारे बिजनेस पर पानी गिर गया।[39]
- * ये लोग यहाँ भी कई बार आते हैं।
- * है एक भगवान का.

* क्या घूर रही हो? ... और पानी ला.[40]

* जबान संभाल के बात करो.

* इसकी जैसी लाखों लडकियाँ है इस बम्बई में...[41]

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथांनी मिश्र वाक्यांचो प्रयोग केला. जातूंत भौभाशीक वाक्यां वांगडाच भौभाशीक उतरां एका वाक्यांत मेळटात.

## पात्र भास

कथाकार चंद्रकांत केणींचीं चडशीं पात्रां मध्यमवर्गी समाजांतल्यान येतात. तांची भास ही भौभाशीक आनी भौवाठारी आशिल्ल्यान तांच्या कथांनी ह्या भासांतलें उलोवप कांय कडेन दिसता. तांच्या कथांतलीं पात्रां एके तरेची प्रामाणीक कोंकणी उलयतात. तशें पळयल्यार चंद्रकांत केणींनी भाशे संबंदान कथेंत व्हडलोसो प्रयोग केल्लो मेळना.

चंद्रकांत केणी हे भाशेचे कुबेर आसले. तांचे कडेन शब्दांचो केन्नाच उणाव नासलो अशें सांगता आसतना दामोदर मावजो म्हणटात, “कोंकणी भाशेची उतरावळ अभिव्यक्ती खातीर उणी पडटा अशें कांय लोक आनी लेखक लेगीत समजतात. पूण ती तांची समजूत तांचें अज्ञानूच दाखयता. म्हाका केन्नाच तशें जाणवल्लें ना. चंद्रकांतबाबांच्या साहित्यांत कसलोय जिणे-अणभव वा अतिसुक्ष्म भावना अभिव्यक्त करपाचें सामर्थ्य आशिल्ली भास स्पश्टपणान दिश्टी पडना.”[42]

प्रसंगा नुसार तांची भास बदलता. देखून भाशेचे नदरेंत चड व्हडलो प्रयोग केल्लो मेळना. तांचें सौंदर्य अद्‌भूतपूर्व आसा. पूण तांचे भाशेक अलंकाराची जडसाण चड प्रमाणांत दिसना. तरी आसतना शब्दांचो जादूय आसा. ते नवीन शब्दांचो प्रसंगा नुसार योग्य रितीन प्रयोग करून हाडटात.

## पात्रानुकूल भाशेची देख

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कथा साहित्याची सुरवात 19व्या शेंकड्याच्या दुसऱ्या अर्दांत म्हणल्यार 1950 वर्सा सावन केली. ह्या काळांत कोंकणी भास आपल्या अस्तित्वा

खातीर झुजताली. ह्या काळांत तांचो 'धर्तरी अजून जियेताली' हो कथासंग्रह मेळटा. ह्या संग्रहांतले 'पयलो शेरमांव' कथेंत 'फिलू' ह्या पात्राच्या माध्यमांतल्यान कथाकार एक खंत उकती करता. फिलूक सदांच दिसता की आयज भुरगीं शाळेंत फिंरगी भास शिकतात आनी मागीर ती तरकारी कशी कातरतात. मायभास उलोवपाक तांकां लज दिसता. देखून तो कामीलाक सदांच शिटकायता आनी गोंयची व्हडवीक सांगता. ती फिलूच्या तोंडांतल्यान अशी येता, "तूं शीक आनी व्हड मनीस जा, जाणा मरे कामील पूण आपलें नीज विसरूं नाका. हें गोंय, हे माड, हांगासल्ल्या दऱ्याचीं ल्हारां, रात दीस पोय जागतात तसो तूं आपल्या देसाचे आनी भाशेचे राखणे खातीर जागरूक राव."[43]

फिलू हो धंद्यांत रेंदेर. देखून ताच्या उलोवपांत जी भास येता तातूंत माड, पोंय, कातोरतात सारकी उतरावळ येता. कामील हो पाद्री देखून ताच्या उलोवपांत पाद्रीची भास येता. देखीक, पाद्री कामील आनी फिलूचो हो संवाद, "फिलू! खरो पातकी तूं न्हय. जमलेलो सगलो लोक पातकी. आरे, आयज हांवें मीस सांगुकूच ना. निखटे हात आनी तोंड हालयलां. कित्याक जाणा तूं? लोकांक तांच्या निजाजें भान करून दिवचें म्हणून! पूण तूंच पळय, लज धरिनासतना सगले आपणें मीस आयकलां म्हूण फट सांगातात."[44] हातूंत कामील उलयता तें उलोवप पाद्रीचें कशें दिसता.

म्हळू पै हो सावड्डेंचो भुसारी पसरकार. जाचो लोकां कडेन चड संबंद येना. हे कथेच्या काळा प्रमाणें गोंयांत पुर्तुगेझ राजवाट आसली जाका लागून गोंयांत पुर्तुगेझ भास चालीक आसली. तशेंच पुर्तुगेझ भाशेचे हे कथाकार लेगीत आसले. देखून पुर्तुगेझ भाशेंतले संवाद (रोमी लिपींत) सहजतायेन कथेंत येतात.

म्हाळू पै वंये भायर उबो राविल्लो पळोवन एक खांपरी ताच्या म्हऱ्यांत येता आनी आपले फिंरगी भाशेंत म्हाळू पैक विचारता, "*Eh ! voce quem? Qui faz aqui?*" तेन्ना म्हाळू ताका फिंरगी भाशेंतल्यान जाप दिता, "*Eu commerciante, esta minha casa, esta urinar*".[45]

दिल्लीक आसतनाचो एक प्रसंग कथाकार 'विसंगत' हे कथेंत दिता. कथाकारूच हे कथेचो निवेदक आसा. दिल्लीक एका उदक विकपी भुरग्या कडेन कथाकाराचो संबंद येता. भुरगो

कथाकारा कडेन हिंदींतल्यान संवाद करता तो असो, “बाबूजी, पानी पियेंगे?” त्या भुरग्यान म्हाका विचारलें. “बारीश में पानी कौन पियेगा भला?” हांवें ताका म्हळें. “मुफत में पी लीजीये... कुछ पैसा देनेका नहीं, बाबूजी!” ताणें म्हळें. फुडें त्या भुरग्यान एक उस्वास सोडलो आनी म्हळें, “आज मौसम बहुत खराब है! सारे बिजनेस पर पानी गिर गया!”[46]

वामन हो एक बिझनेस मेन. वानमाक विचारता. “तुमी कितें करतात?” तेन्ना वामन ताका इंग्लिश कोंकणी अशा मिस्तुराद भाशेंत सांगता, “बिझनेस आदीं इंपोर्ट-एक्सपोर्ट करतालों. आतां इंडस्ट्री सुरू करूंक सोदतां.”[47]

‘दिवली’ हे कथेंतलो नायक हो एक प्रोफेसर आसता आनी सांतान हो ताचो कुजनेर. नायक सांताना बाराबर उलयता आसतना अशें म्हणटा, “सांतान वच, आज बरें कोप मारून यो. म्हाका लेगीत घेवंक जाय तुजे बाराबर.”[48]

‘फुलांकान्न’ हे कथेंतली फुलांकान्न ही अशिक्षीत आनी अडाणी बायल. ह्या तरांचे संवादा तिच्या तोंडांतल्यान येतात. देखीक, “म्हाका पैशांचो हिसोब कितें करुच्याक धनयानूं! म्हाका आणो कितें आनी रुपयो कितें! धनयाचीच कुरपा सगळी.”[49]

‘काश्मिरांतली कळी’ हातूंत कथाकार हो कथेचो निवेदक जावन कथा सांगता. कश्मिराक गेल्ले कडेन कथाकार शिकाऱ्यांत भोंवता आसतना जो संवाद आयला तो पुराय हिंदींतल्यान आसा तो असो:

> “बापूजी, आप बम्बईकी तरफ से आये हैं क्या?” शिकारा चलयतल्यान म्हाका विचाल्लें.
>
> “हां भाई, क्यों पुछा?”
>
> “सुना है वहाँ फिल्में बनानेवाली बहुतसी कंपनियाँ हैं!”
>
> “हां!”
>
> “वे लोग यहाँ भी कई बार आते हैं ....,”[50]

सांतान रेंदेरान शिळोणी घालून विघ्न हाडलें आनी म्हटलें, “बरो मोग कोत्ताय मुरे तुमी!” ताणें साद घालो. हांगाच कथा सोंपता पूण सांतान रेंदेराचें हें एकूच वाक्य पुराय कथेंत प्रभावशाली थारता.[51]

गोंय हें पुर्तुगेझ राजवाटींत आसलें देखून पुर्तुगेझ भाशेंतलीं कांय उतरां कोंकणींत भरसल्यांत. तीं सहजपणान संवादांत येतात. देखीक, 'पिकिल्लीं पानां' हे कथेंतल्या घोव बायलेच्या संवादांत घोव बायलेक म्हणटा, "हालीं बायलां पोलकां लेगीत आलफियादांकडच्यान शिंवन घेतात."[52]

'नातें रगताचें' हातूंत पुंडलीक आनी नायक हे दोगूय शिकिल्ले आसले. देखून ते उलयता आसतना कोंकणी इंग्लेज संवाद येतात. देखीक, "एक प्रोब्लेम ... गौरीखातीर ओ. आर. एच् नेगेटिव्ह ग्रुपाचें रगत जाय ... हॉस्पिटलांत ना ... म्हजें पोझिटिव्ह ... सोंपेपणी मळना."[53]

मुंबयच्या फुटपाथाचेर डायना डिसूझा आनी रॉक हडसन हांचे संवाद इंग्लेज, हिंदी, कोंकणी भाशेमतल्यान येतात. हें उलोवप घडये तांणी मुंबयचें वातावरण तयार करपा खातीर केलां. देखीक:

"यू इडियट." तिणें म्हळें.

"ए स्विटी, होल्ड युवर टंग."

"घराकडेन आवय भयणी नात रे तुका?" कोण तरी धेंकसलो.

"अरे, छोड बे ... इसकी जैसी लाखों लडकियाँ हैं इस बंम्बई में."

"जबान संभाल के बात करो." डायनान ताका धमकायलो.

"तिगेलें गॉगल्स फुटलें." कोणें तरी म्हळें.

"तें बरें आसा." तो दादलो मात्सो थंड जालो. ताणें म्हळें,

"इफ यू डोंट माईंड ... हांव तुगेल्या गॉगल्साचे पयशे दितां."

डायना ताका पळयत रावलें.

"सॉरी ... अजून राग न्हिवलो ना?"

डायना हांसलें.

लोक तांकां पळेत रावले. ती नदर चुकोवंक ताणे म्हळें, "धीस वे प्लीज ...."[54]

चंद्रकांत केणींच्या कथांतलीं चडशीं पात्रां एकेच तरेची भास उलयतना दिसतात. देखून तांणी भाशेचे नदरेंतल्यान कांय व्हड प्रयोग केल्ले तरी दिसनात, तरी तांच्या कांय कथांनी भाशे संबंदींत कांय प्रयोग केल्ले मेळटात. पूण ते भोव थोड्या वा मोजक्याच प्रमाणांत येतात.

## भाशेच्या स्वरुपांत - शब्द

### शब्दगत प्रयोग

इतिहासीक नदरेंतल्यान उतरांचे तीन वर्ग आसात.[55] 1. तत्सम 2. तद्‌भव 3. देशी वा थळावीं उतरां. कथाकार चंद्रकांत केणीं हांणी कोंकणी कथा साहित्यांत ह्या तिनूय तरांच्या उतरांचो प्रयोग केल्लो मेळटा. पूण तातूंत तत्सम आनी तद्‌भव उतरांचो प्रयोग चड प्रमाणांत केल्लो दिसना. ते परस इंग्लेज आनी हिंदी उतरांचो प्रयोग कथा साहित्यांत चड प्रमाणांत मेळटा. कांय कडेन उर्दू-फारसी, मराठी, पुर्तुगेझ उतरांचो प्रयोग लेगीत तांच्या कथांनी मेळटा. तेच प्रमाण संकर आनी आवृत्तिमुलक उतरांचो वापर तांणी केल्लो मेळटा. तर कांय कथांनी गोंयच्या क्रिस्तांव समाजांतलीं मोजकीच उतरावळ मेळटा. कांय कडेन पुर्तुगेझ भाशेचो प्रभाव तांच्या कथांतल्या उतरांतल्यान जाणवता.

### तत्सम

कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा साहित्यांत तत्सम उतरांचो प्रयोग चड केल्लो दिसना. तरी तांच्या कथा साहित्यांत कांय मोजकींच तत्सम उतरां मेळटात. तातूंत, 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत पुण्य, नपश्चात, पवित्र, मंत्रशक्ती, शत्रुसैन्य, दिव्य, स्तोत्र, ग्रह, यज्ञ, काव्य, बी उतरां मेळटात.[56]

जाल्यार 'अळमी' हातूंत श्रावण, कवी, महाकाव्य, उग्र, चंद्र, वस्त्रा, विश्व, सप्रार्षा, वैशाख, भाग्य, कुळ, क्षमा, लक्ष, लक्ष्मी-नारायण, दर्शन, लीला, संस्कृती सारकीं उतरां मेळटात.[57]

जाल्यार 'व्हंकल पावणी' हातूंत वनस्पती, अप्सरा, सृश्टी, ब्रह्मदेव, नि:शस्त्र, संकश्ट, अंतर्ज्ञानि, विद्रुप, मुर्त, कृष्ण, रथ, प्राण, चित्रगुप्त, देव, दरबार, द्वारपाल, सर्ग, अमृत, ब्रह्माचार, आशिर्वाद, गंध, मदन, मोहिनी, सुक्षीम, सुप्ती, जागृत, मोक्ष, अवतार, धर्म, कीर्त ह्या सारक्या उतरांचो प्रयोग मेळटा.[58]

## तद्भव

तत्सम उतरां वांगडाच कथाकार चंद्रकांत केणींनी तद्भव उतरांचो प्रयोग आपल्या कथा साहित्यांत गरजे प्रमाण केल्लो मेळटा. ह्या उतरांच्या प्रयोगान भाशेचें सादेपण दिसून येता. कथाकार चंद्रकांत केणींनी तद्भव उतरांचो प्रयोग मोजकेच तरेन केल्लो मेळटा.

'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत रुक्ष, स्पर्श, सत्यानाश, जल्म, गौरव, संदेश, बी उतरां मेळटात.[59] 'अळमी' हातूंत शिष्य, स्वमीन, मत्सय, अस्त, निर्विकार, पत्रावळ, नेखेत्रां, बी उतरां मेळटात.[60]

जाल्यार 'व्हंकल पावणी' ह्या संग्रहांत हीं तद्भव उतरां मेळटात. अप्रूप, कायाकल्प, प्रस्न, इत्सा, राजकुंबर, स्पर्श, निरपेक्ष, आंगान, अपंग, सुंदर, चरित्रचित्रण, संवसार, आंग, प्रेत, कुलीन, मुल्य, तर्कशुद्ध, निचेश्ठ, मंत्ता, रीण, कस्तुरें, दिखा, दिका, बी उतरांचो प्रयोग केल्लो मेळटा.[61]

## देशी वा थळावीं उतरां

चंद्रकांत केणींनी हे तरेच्या उतरांचो प्रयोग चड प्रमाणांत केल्लो दिश्टी पडना. तरी कांय प्रमाणांत कोंकणींतलीं थळावीं उतरां मेळटात. तातूंत 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत चुरचुरे, हांडो, पासार, गात्रा, पंद्रशेंतल्यान, पानवळ, नीज, जबर, भावार्थ, दिसपट्टी, सेरमांव, कालसांव, बेसांव, खेव मारप, फार, शेवाक, बेबो (एके तरेचे कपडे), तरकारी कातरतात, खेदिश्ट, इबाड, पोय जागतात, केदी खोस जाली, मीस, दिमी मोडूंक, गुन्यांव भगस, उजू म्हारग, पुरुमेंत, चेव, बिशाद, पागण, भाणशिरें, घरकान्न, मुसळ, बोंदर, शाक, कोप, खोमीस, ओलववलो, अंतस्करणांतल्यान, काबाय (कपडे), माय-पाय, व्हनी सारकीं उतरां मेळटात.[62]

जाल्यार ‘अळमी’ हातूंत कारेंत, चायेक आदान दवरप, कोत्ताय, शिळोण, नुस्तें मोव वा नुस्तें पोंवशेल्लें, अच्छेव, पांखल्यांचीं चेडवां, निथू सारकीं उतरां मेळटात.[63] तर ‘व्हंकल पावणी’ हातूंत भोगोस, काबार, कोंबो-कोंबी, गोटे गिळटा, म्हातारो कट्टर, सान्न, पेटे सारकीं उतरां मेळटात.[64]

## अरबी फारसी उतरां

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत कांय मोजकींच अरबी आनी फारसी उतरां मेळटात. तातूंत ‘धर्तरी अजून जियेताली’ हातूंत रजा, हुकूम सारकीं उतरां मेळटात.[65] जाल्यार ‘अळमी’ हे कथेंत इरादा, हिमालय, सारकीं उतरां मेळटात.[66] तर ‘व्हंकल पावणी’ हे कथेंत बर्फ, करार, वसूल, कबूल, जुलूम, फाजील, गुलाब, खुलासा, फुरसत, सलाम सारकीं उतरां मेळटात.[67]

## इंग्लेज उतरां

चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा साहित्यांत इंग्लेज भाशेचो प्रयोग केल्लो पळोवंक मेळटा. तातूंत ‘धर्तरी अजून जियेताली’ हे कथेंत बिझनेस, इंपोर्ट-एक्सपोर्ट, इंडस्ट्री, ब्रॅश, रिवोल्वर, स्टॉप, वन्स-मोअर, बॅग, बी उतरां मेळटात.[68]

तर ‘अळमीत’ रिसिव्हर, कॉलम, टेलेप्रिण्टर, पेज-प्रूफ, कंपोजिटर, बूट, पॅट, केबल, रेफॉर्म, टॅक्सी, इंटरव्ह्यु, कॅलेंडर, गॅस, ओव्हर-टायम, बॉस, बर्थ डे, गर्ल्स, ओ. के., नॉट, बॅड, आयडिया, थँक्यू, कॅमर, ट्रे, इंजिनियर, इन्स्टिट्यूट, बकेट, लॅन, सॉरी, ओ, स्काफ, टीप, नर्स, ड्युटेर, सारकीं उतरां मेळटात.[69]

तर ‘व्हंकल पावणी’ कथेंत तांणी जायत्या इंग्लेज उतरांचो वापर केल्लो मेळटा. तातूंत, टिव्ही, टॅकस्, हॉटेल, पोस्टमार्टम, सिवील सर्जन, पोलीस इन्स्पेटर, सर्टिफिकेट, बाथरूम, पार्टी, हॉस्पिटल, ऑपरेशन थेटर, टेबल, शोक, नर्सी, चेंबर, पेग, मॅचिंग, बी.ए, एम.बी.बी.एस, मेडिकल कॉलेज, इंटरव्हल, लायट, कॅण्डी, चोकोबार, मॅगो, फिफ्टी, आयस्क्रीम, सर्जरी, स्कोलरशीप, स्पेशलरूम, बुके, ऑपरेशन, पेशंट, ट्रक, ओपन हार्ट सर्जरी, नर्वस, प्रोब्लेम, ओ.आर.एच नेगेटीव्ह, ग्रूप, पोझिटिव्ह, प्लीज, कॉन्वेण्ट, थर्ड इयर,

नोटबूक, देअर, बॉस, ए, ऑर्डर, सिग्रेट, सूट, बँक, ऑफीस, टायपींग, मिनिस्टर, पॉकेट, जोक, स्टेशन, कॉफी, पॅरलिसीस एटक, पेपरवेट, गुडबाय, फुलसिल्ब, मेकअप, इंटरनॅशनल, मॅडम, रिपोर्ट, मॅनर्स, कॅज्युअल, कस्टम, युडाडियर, फॉम, प्रॉफॅशन, मोस्ट, एलिजीबल, बॅचलर, गॉगल, पासपोर्ट, मीस्, कॅबीन, सेक्रेटरी, ट्यूशन, यस्, कम ईन, व्हरोडा, बेलबोटम, शर्ट, बॉनेट, सेट, सीन, फुल-लायर, इंजीन, एक्सिडेण्ट, ग्रुप, लिमिटेशन, एक्ट, स्मगलर, केस, वेव्हलेंथ, ब्युटिशियन, मॉडेलिंग, रोमान्स, हायजॅक, स्टिरियो, फॅलट, काँक्रीट,[70] बी उतरांचो वापर केल्लो मेळटा. वयर उल्लेख केल्ल्या कथा संग्रहांत इंग्लीश उतरां देवनगारी लिपयेंत आसात. विस्तारा खतीर सगल्या उतरांचो उल्लेख करूंक ना.

## पुर्तुगेझ उतरां

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत कांय पुर्तुगेझ उतरांचो वापर केल्लो मेळटा. 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत लाचार, लोच, जोनल, पुरुमेंत, ऑदे, बोंदेर, पिराचित्र, ओस, अंर्म, प्रेज, सिजोर, फार, ओराव्हा, क्वार्तेतार, कास्तीगार, हे सारकीं उतरां मेळटात.[71] जाल्यार 'अळमी' ह्या कथा संग्रहांत कालसांव, कार्रेरीर, कोमुनिश्त, फ्राक, ओपेरेसांव, इश्को, कुजनेर, लिसेव, बोल्स, सिर्वि, आलाफ्रियाद, फोलीन हेर उतरां मेळटात.[72] तर व्हंकल पावणेंत व्हिस्तीद, मेज, रकाद, वार्तेल, गार्फ, शिशे, खोर्न, बी पुर्तुगेझ उतरां मेळटात.[73]

## हिंदी उतरां

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत हिंदी उतरांचो प्रयोग केल्लो मेळटा. तातूंत 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत विवस्त्र, विसंगत, एकाग्रता, भारी, हवा, प्रजासत्ताक, तिरंगा, सरकावन, हत्या, आकांक्षा, सत्यनाश, प्रेरणा, कसरत, आँधी, पानी, बारीश, में, कौन, भला, उदास हे सारकीं उतरां मेळटात.[74]

जाल्यार 'अळमी' हातूंत शिकारी, सुरमा, आप. तरफ, क्या, भाई, इलाज, चौकीदार, मफलर, विरजण, गैर, समज, कुली, तालाब, रास्ता, रोको, मित्र, चूंबन, सारकीं उतरां मेळटात.[75]

तर ‘व्हंकल पावणी’ हातूंत रस्ता, रोको, मित्र, किस्सा, मुर्गी, आरोपी, भगवान, दरबार, अंधेर, नहीं, देर, अनुशासन, जप, बेडी, अपेक्षित, देह, स्त्री, विवंचन, ध्येयसिद्धी, निचेश्ठ, काया, इशारा, विज्ञान, उदार, हेर हिंदी उतरां मेळटात.[76]

## मराठी उतरां

चंद्रकांत केणी मराठी दिसाळ्याचे संपादक आसले आनी मराठी भाशेचे जाणकार. देखून तांच्या कथा साहित्यांत मराठी उतरांचो वापर केल्लो मेळटा. ‘धर्तरी अजून जियेताली’ हातूंत कांय मराठी उतरांचो प्रयोग केल्लो मेळटा. देखीक, कडेक, तपासणी, आनंद, तास, निसर्ग, डोळ्यात, कठोर, आई, वारी, तजक, जाई, सर, कर्ज, अर्दवट, वैतागून, तोंवर, गणती, पसंत, दाद, झोंबली, करंदाय, जवंजाळ, झकास, गोंधळ, झाकडी अशीं उतरां मेळटात.[77]

‘अळमी’ हातूंत कांय मराठी उतरां मेळटात तीं अशीं. आग्रो, ओळी, बातम्या, कट-कट, निस्वास, खात्री, बंदिवास, निवड, हूर-हूर, झोत, माळ, आरंभ, निर्लज्ज, अखिडेवनम, बी सारक्या मराठी उतरांचो प्रयोग केल्लो मेळटा.[78]

‘व्हंकल पावणी’ हातूंत गाढ, शाबास, घटस्फोट, मैत्रीण, उलट तपासणी, इंद्रधण, थांबली, चुळबूळ, संवत, वयनी, संकोच, जथापथ, खात्री, रूढ, सारकीं उतरां मेळटात.[79]

## संकर उतरां

दोन वेगळ्यावेगळ्या भासांतलीं उतरां एकठांय येवन एक नवें उतर तयार जाता ताका संकर उतर म्हणटात. चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत अशा संकर उतरांचो वापर जाल्लो सिश्टी पडटा. कांय उतरां देखीच्या रुपान पळोवं येतात.

### धर्तरी अजून जियेताली

पुर्तुगेझ + कोंकणी = जोर्नालापुरतोच

संस्कृत + कोंकणी = पुण्यात्मो

कोंकणी + संस्कृत = हालअपेष्ट

मराठी + कोंकणी = जाईसर[80]

## अळमी

पुर्तुगेझ + कोंकणी = आलफ्रियादार

कोंकणी + इंग्लेज = तारऑफीस

इंग्लेज + कोंकणी = इंजिनियरसाब

हिंदी + कोंकणी = क्षितिजाकडेन[81]

## व्हंकल पावणी

मराठी + कोंकणी = आईसरी

इंग्लेज + कोंकणी = कस्टमखातें[82]

## शब्दयुग्मांचो प्रयोग

चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा साहित्यांत कांय कडेन शब्दयुग्मांचो वापर केल्लो दिसता. शब्दयुग्म हीं दोन वेगळींवेगळीं उतरां आसात. 'शब्द' ह्या उतराचो अर्थ सार्थक ध्वनी आनी 'युग्मा'चो अर्थ (जोडा) जोडी असो जाता. देखून शब्दयुग्माचो अर्थ सार्थक ध्वनीची जोडी असो जाता.[83] शब्दयुग्माचे वेगळेवेगळे प्रकार आसात. तातूंत कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत दोन प्रकारचे शब्दयुग्म मेळटात. ते म्हणल्यार 'संयुक्त' आनी 'समान संयुक्त'.

## संयुक्त

'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत काचा-बूल, हाल-अपेष्टा, लांब-व्हड, म्हातारे-कोतारे, हांसत-खेळत, सवणीं-सावदां, गोरें-धवें, गरीब-दुबळ्यांक, काम-धंदो, शीम-मेर, घासून-पुसून, जंव-जाळ, पेज-निवळ, सणा-सुदीक अशीं कांय उतरां मेळटात.[84]

'अळमी' हातूंत जळा-मळाक, चुकून-माकून, धड-पड, कास-वीस, वास-पूस, फार-मार, पार-पोळ, मोल-मेज, काट-कसर, मुख-दुर्बळ सारकीं उतरां आसात.[85]

'व्हंकल पावणी' हातूंत काया-कल्प, मोव-कोवळयो, चूळ-बूळ, एकलें-एकसुरें, शिरेन-शीर, जथ-पथ, पाटी-पुस्तक, दिवपा-घेवपा, येवप-वचप, धाडप-व्हरप, गांठ-भेट,

शेंण-शिंतोडो, साळ-सूद, गिरेस्त-दुर्बळ, दया-माया, हालप-धोलप, जळा-मळाक सारकीं उतरां मेळटात.[86]

## समान संयुक्त

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत सामान्य संयुक्त उतरां मेळटात. तातूंत 'धर्तरी अजून जियेताली' हातूंत रडत-रडत, उलयत-उलयत, कूय-कूय, बील-बील, तीप-तीप सारकीं कांय उतरां मेळटात.[87]

जाल्यार 'अळमी' ह्या संग्रहांत भीत-भीत, हूर-हूर, बेगीन-बेगीन, ल्हव-ल्हव[88] अशीं कांय उतरां आसात. जाल्यार 'व्हंकल पावणी' ह्या संग्रहांत कट-कट, खरपितां-खरपितां, नाका-नाका, धड-धड सारकीं उतरां मेळटात.[89]

## विभिन्न उतरावळ

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत विंगड विंगड मळां वयली उतरावळ मेळटा. तातूंत ते एक पत्रकार आसले तेच बाराबर ते वेगळयावेगळया मळांचेर वावरिल्ले. ह्या सगळ्या मळां वयलीं उतरां तांच्या कथा साहित्यांत दिसतात.

## पत्रकारिते संबंदी उतरावळ

'अळमी' ह्या कथा सग्रहांतले 'आमले तोर' हे कथेंत पत्रकारिते संबंदीत कांय उतरावळ मेळटा. तातूंत कंपोजींग खातें, अग्रलेख, कॉलम, टॅलिप्रिंटर, बातम्या, पेज-प्रुफ, फार्म-मशीन[90] हे सारकिल्लीं कांय उतरां मेळटात.

## होस्पिटला संबंदीत उतरावळ

पोस्ट मार्टम, सिविल सर्जन, हॉस्पिटल, नर्स, डॉक्टर, ऑपरेशन, ऑपरेशन थेटर, स्पेशल रूम, ओपन हार्ट सर्जरी, नेगेटिव्ह ग्रूप, रगत, पोझिटिव्ह ग्रूप, पॅरालिसीसचो अटॅक सारकीं उतरां मेळटात.[91]

## धार्मीक वा आध्यात्मीक उतरावळ

भगवा, स्वमीन, शिष्य, लक्ष्मी-नारायण, कुकूम, देऊळ, लक्ष्मणरेषा, सेवा, बेसांव, पाद्री, मीस, स्तोत्र, जेजू, धर्म, कुंकळकान्न, पाव गे सायबिणी, संतोस, देवचाराची बिशाद, अवतार, कृष्ण, अमृत, दरबार हे सारकी कांय धार्मीक आनी आध्यात्मीक उतरावळ देख म्हूण घेवं येता.[92]

## कायद्या संबंदीत आनी कार्यालयीन उतरावळ

ऑफिसांत, बॉस, इन्स्टिट्यूट, तार-ऑफीस, पेपेरवेट, कॅज्यूअल, आरोपी, मुजती भायर, लिमिटेशन, एक्ट, कोर्ट, कोर्टान दिल्ली मुदत, पासपोर्ट, विक्रीपत्र सारकीं उतरां मेळटात.[93]

## राजनितीक आनी सैन्य / फौज उतरावळ

क्रांती, स्वातंत्र्य सैनीक, कोमुनिस्तालो प्रचार, गांधीतोपी, जयहिंदिस्त, पुलीस, राश्ट्रीय एकचार, सिंजोर, बोदेर, प्रजासत्ताक, लस्करी, आर्म, घुरी, शत्रू सैन्य, फुडारी हे सारकीं उतरां मेळटात.[94]

## म्हणी आनी ओपारी

चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत म्हणींचो वापर केल्लो मेळटा. इंग्लीश भाशेंत म्हणीक ‘प्रोवर्ब’ (proverb) अशें म्हणटात. म्हणी म्हणल्यार लोकवेदाचो एक मौखीक साहित्य प्रकार. भाशेंत म्हणींक खूब म्हत्व आसता. कांय जाणकार म्हणी म्हणल्यार अणभवाचें उलोवप अशें म्हणटात. चंद्रकांत केणी हे भौवभाशीक आसले देखून तांणी कोंकणी कथेंत भौवभाशीक म्हणींचो वापर केल्लो मेळटा. तातूंत कोंकणी म्हणी मेळटात तेच बाराबर हिंदी आनी इंग्लेज म्हणीय मेळटात. त्यो अश्यो आसात:

## कोंकणी म्हणी

## धर्तरी अजून जियेताली

बोंबलीभर उदकांत वचून सुकी काश्टी दाखोवंक सोदप.

रेड्या-पाड्या झुजांत झाडाचेर काळ.

हती भागलो म्हूण घोड्याचे घोडवळींत पावना.

कुवाळो जेन्ना मसगाची सांग जाता.

दुश्काळांत तेरावो म्हैनो.

इतलें थंय तितलें.[95]

**अळमी**

दुदाची तान ताकार भागोवपाचो येत्न करप.

चण्या झाडार चडोवप.

ह्या बोटा वयलो निथू त्या बोटार करूंक करप.

महम्मद दोंगराकडेन वचना जाल्यार दोंगर महम्मदाकडेन आयलो. (हिंदी म्हणीचो कोंकणी अणकार.)[96]

**व्हंकल पावणी**

जाणटेल्यांचो विरोध हो ताटांतल्या मिठा वरी आसता.

कावळ्याक दुदान न्हाणयलो म्हणून तो पारवो जावंक पावना.

सद्दां मरतल्याक कोण रडटा.

एका हातान दिवप आनी दुसऱ्या हातान घेवप.

गांव तसो भेस. [97]

**हिंदी म्हण**

भगवान के दरबार में देर है, पर अंधेर नहीं.[98]

**इंग्लीश म्हण (रोमी लिपींत)**

One man’s meat is another man’s poison.[99]

**वाक्प्रचार**

वाक्प्रचार हे सगळ्या भासांनी आसतात आनी दर एके भाशेचे आपले अशे खाशेले वाक्प्रचार आसतात. वाक्प्रचाराक इंग्लेज भाशेंत ‘idioms’ अशें म्हणटात. इडियम

उतराची परिभाशा दिता आसतना Wren आनी Martin अशी दितात. *“Idioms may be defined as expression peculiar to a language”.*[100] कथेंत चडसो कथाकार हो निवेदकाच्या रुपांत आसता. देखून कांय वाक्प्रचार निवेदनांत येतात तर कांय पात्रांच्या तोंडांतल्यान येतात. चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा साहित्यांत खूब वाक्प्रचारांचो वापर केल्लो मेळटा. तातूंत:

**धर्तरी अजून जियेताली**

आंग काडप, वाजें पडप, दोळ्यांत तेल घालप, धोल बडोवप, देवालें आपोवणें येवप, जप करप, मस्करी करप, कासावीस जावप, शीम-मेर नासप, कानार घालप, चुट्टी पेटप, सोनोडेक पडप, उंवाळून घालप, गोबराचो लेगीत आदार नासप, भानार येवप, कोप मारप, मन जड जावप, तिडक कपलाक रोमप हे सारकिल्ले वाक्प्रचार मेळटात.[101]

**अळमी**

उदक सुटप, मन मारप, मन आवरून घेवप, मान सकल घालप, वाऱ्यार पडप, कात मानग्याची जावप, आड पडप, दोळो लागप, दार आड करप, रान मेकळें जावप, फार मार करप, दोळे मोठे करप, नळे माथ्यार घेवप, तोल वचप, पावल जड जावप, माजराच्या पावलांनी येवप, लकणी घेवप, हड्ड्यांत कलकलप, मन ल्हान जावप, गळ्या कडेन कचरप, जिबेर इंगळो घेवन भोंवप, पांयाचेर उबो रावप, हळद लावप, उजो मारप, खांदर बसोवप हे वाक्प्रचार मेळटात.[102]

**व्हंकल पावणी**

हात मोटवे जावप, कमर बागोवन काम करप, खावंक येवप, सर्गाक हात लावप, पाळणें धोलप, आंग शिरशिरप, मन खावंक लागप, पाल झाडप, शिरेन शीर फुलप, पावणेर काडप, किडे किरकिरप, जमनीर कोसळप, माथें खरपप, काळीज भरून येवप, पांय आपटप, खार पडप, रानांत पडप, जोगूल देंवप, कपलाक मिरयो पडप, जोतीं झरोवप, काळजा कडेन हात वचप, देव पावप, हात-पांय थंड जावप, नशीब फुटप, कमराचें सोडोवन माथ्याक बांदप, शेंपडेक उजो पेटप, उज्यांत उडी मारप, कांटो फुलप, बांद फुटप, दुकां

गिळप, गळो दाटून येवप, पाल चुकचुकप, संवसार वाऱ्यार घालप, आकूळ पिकूळ जावप, मीठ मसालो लावप, उज्यांत तेल रकोवप, पांयांनी माजराची चाल भरप हे सरके वाक्प्रचार मेळटात.[103]

## निश्कर्श:

चंद्रकांत केणींच्या कथांनी सादी आनी सरळ भास येता. ल्हान ल्हान वाक्यां आनी भास सुटसुटीत संवाद दिता. तातूंत हिंदी, इंग्लेज, पुर्तुगेझ वाक्यां मेळटात. निश्कर्श रुपांत म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणींनी पात्रांनुकूल भासेचो वापर केल्लो मेळटा. शब्दगत प्रयोगांत तत्सम, तद्‌भव तशेंच स्थायीक उतरां अंतर्गत कोंकणी, हिंदी, फारसी, अरबी, पुर्तुगेझ, मराठी उतरां मेळटात जाल्यार संकर शब्दांचो प्रयोग केल्लो मेळटा. तशेंच कोंकणी म्हणी ओंपारीं वांगडा हेर भासांतल्या म्हणींचो वापर केल्लो दिसता. वाक्प्रचारांचो वापर तांणी चडांत चड प्रमाणांत केल्लो मेळटा. कोंकणी कथेंत भौभाशीकतायेचो वापर करता आसतना कोंकणीक जुळटा अशी उतरावळ वापरून कोंकणी भास समृद्ध केली.

***

## संदर्भ

1. शर्मा, जाकनी प्रसाद. कहानी का वर्तमान. राजसुत्र प्रकाशन, दिल्ली; 2000. पान. क्र. 80
2. पुंडे, दत्तात्रय. आनी डॉ. तावरे, स्नेहल. (संपादक). साहित्य विचार. स्नेहवर्धन पब्लिशिंग हावज, पुणे; (दुसरी खेप) 1996. पान. क्र. 63.
3. प्रा. लवंदे, वसंत गोविंद. कोंकणी भाशेचें अध्यापन. गोवा कोंकणी आकादेमी, पणजी गोंय; 1995. पान. क्र. 11.
4. डॉ. इष्वाल, नरेन्द्र. कथाकार निर्मल वर्मा. श्याम प्रकाशन, जयपूर; 2001. पान क्र. 125.
5. .......... जैत, दिवाळी अंक. 2009. पान. क्र. 9. लेख: खरो चंद्रकांत ताच्या कथांनी: केळेकार, रवीन्द्र.
6. .......... कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान. क्र. 68. लेख: भांगराळो सांगात : बोरकार, मित्रा.
7. ..........(संपादन). साहित्य शिल्प. गोवा कोंकणी आकादेमी, पणजी-गोंय; 1995, पान क्र. 124.
8. ............ जाग, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, पान. क्र. 11. लेख: भोवप्रसवी साहित्यीक : मावजो, दामोदर.
9. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 18-21.
10. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 95.
11. .......... कोंकणी. चवथ अंक 2009. पान. क्र. 21. लेख: चंद्रकांतबाब केणी : दूरदृष्टीचो फुडारी! : नायक, पुंडलीक.
12. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलाकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव - गोंय; 2003. पान. क्र. 202.

13. केणी, चंद्रकांत. सरभरस. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2008. पान क्र. 60.

14. डॉ. मौर्य देवकृष्ण. उपन्यास शिल्पी अक्षेय. शैतजा प्रकाशन. कानपूर; 2006. पान. क्र. 34.

15. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र. 18 - 19.

16. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 48

17. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 19-20.

18. तत्रैवा; पान. क्र. 64.

19. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 95.

20. तत्रैवा; पान. क्र. 54-59.

21. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 50-51.

22. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 62.

23. तत्रैवा; पान. क्र. 34.

24. तत्रैवा; पान. क्र. 62.

25. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली, गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान क्र. 11.

26. वेरेंकार, श्याम., सरदेसाय, माधवी., म्हाळशी, कमलाकर. (संपादक). कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव - गोंय; 2003. पान. क्र. 140.

27. Baily, Tom. (संपादक). On writing shor stories. New York Oxford University Press; 2000. पान. क्र. 76.

28. .......... जाग, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, पान. क्र. 23. लेख: म्हका उमजल्ली चंद्रकांतबाबांली कथा : आचार्य, योगिनी.

29. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 6.

30. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 48.

31. केणी, चंद्रकांत. बहुरत्ना वसुंधरा. चंद्रकांत केणी सत्कार समिती, मडगांव-गोंय; 2004, पान. क्र. 5.

32. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 17-18.

33. तत्रैवा; पान. क्र. 57.

34. तत्रैवा; पान. क्र. 11.

35. तत्रैवा; पान. क्र. 50.

36. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 51.

37. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 34, 62, 63, 73.

38. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 10-14.

39. तत्रैवा; पान. क्र. 50 - 51.

40. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 55, 59.

41. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 62.

42. ........... जाग, दिवाळी-नातलां अंक 2009. पान. क्र. 11. लेख: भोवप्रसवी साहित्यीक : मावजो, दामोदर.

43. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 19.

44. तत्रैवा; पान. क्र. 21.

45. तत्रैवा; पान. क्र. 11.

46. तत्रैवा; पान. क्र. 50 - 51.

47. तत्रैवा; पान. क्र. 7.

48. तत्रैवा; पान. क्र. 65.

49. तत्रैवा; पान. क्र. 72.

50. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 55.

51. तत्रैवा; पान. क्र. 95.

52. तत्रैवा; पान. क्र. 106.

53. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 27.

54. तत्रैवा; पान. क्र. 64.

55. डॉ. मौर्य देवकृष्ण. उपन्यास शिल्पी अक्षेय. शैतजा प्रकाशन. कानपूर; 2006. पान. क्र. 36.

56. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 8, 13, 16, 29, 31, 32, 33, 48, 59, 12.

57. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 9, 23, 33, 39, 58, 66, 74, 87, 54, 57, 55.

58. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 14, 21, 15, 18, 24, 49, 50, 70.

59. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 31, 52, 66, 34, 58.

60. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 13, 64, 67, 71, 30, 48, 13, 64, 67, 71.

61. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 13, 14, 19, 21, 22, 27, 53, 55, 57, 60, 100, 124, 149, 147, 159, 172, 43, 161, 13, 74.

62. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 63, 53, 7, 5, 10, 13, 19, 18, 15, 20, 19, 16, 28, 12, 16, 43, 60, 59, 58, 65, 26, 28, 33, 65.

63. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान.क्र. 45, 59, 95, 108, 42.

64. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 137, 59, 132, 82, 93, 124, 162.

65. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 66, 7.

66. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान.क्र. 76, 71.

67. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 153, 148, 43, 133, 181, 107, 81, 155, 58.

68. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 7, 8, 23, 17, 50, 57, 58.

69. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 9, 12, 13, 35, 36, 30, 66, 69, 71, 70, 80, 73, 88, 94.

70. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 14, 16, 17, 22, 19, 24, 23, 26, 27, 28, 34, 39, 43, 92, 49, 51, 55, 47, 57, 50, 55, 62, 63, 59, 62, 66, 67, 68, 69, 71, 82, 105, 108, 117, 133, 138, 132, 144, 169.

71. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 5, 47, 8, 9, 10, 12, 16, 17, 12, 25.

72. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 19, 44, 38, 39, 62, 64, 106, 103.

73. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 16, 32, 102, 141, 126, 128.

74. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 26, 31, 62, 16, 32, 34, 35, 47, 50, 58, 66.

75. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 54, 58, 13, 61, 70, 75, 58, 85, 99.

76. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 116, 114, 132, 135, 138, 144, 146, 149, 155, 159.

77. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 5, 13, 60, 33, 41, 24, 40, 26, 57, 23, 25, 26, 29, 34, 40, 42, 45, 44, 63, 70, 65.

78. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 10, 12, 11, 13, 14, 94, 96, 108, 65.

79. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 40, 59, 147, 17, 46, 18, 20, 23, 26, 28, 32, 37, 47, 50, 86, 141.

80. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 10,16,25.

81. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 106,73, 69.

82. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 107, 13.

83. साळुंके, सुरेश चांगदेव. गिरिराज किशोरी का उपन्यास साहित्य : एक अनुशीलन. अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2004. पान. क्र. 222 - 223.

84. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 12, 15, 20, 30, 32, 39, 46, 49, 51, 62, 63, 67, 69.

85. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 11, 12, 13, 22, 40, 46, 49, 69, 89, 104, 102.

86. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 14, 22, 23, 44, 75, 79, 89, 94, 103, 108, 117, 123, 135, 152.

87. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 23, 43, 54, 20.

88. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 45, 51.

89. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 13, 51, 123, 159.

90. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 8 - 15.

91. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 15, 32, 55.

92. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 56, 69, 64, 74, 105, 74, 85.

    केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 81, 103, 134, 137.

93. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 35, 76.

    केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 56, 58, 113, 69, 59, 127.

94. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 10, 21, 46, 45.

    केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 56.

    केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 10 -18, 31 - 39, 60.

95. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 13, 34, 37, 69.

96. केणी, चंद्रकांत. अळमी, सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान क्र. 12, 35, 43, 45.

97. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 9, 63, 166, 111.

98. तत्रैवा; पान. क्र. 95.

99. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली; पान क्र. 96.

100. Wren. P. C. and Martin, H. (संपादक). English Grammar and Composition. S. Chand : Company Ltd. New Delhi; 1990. पान. क्र. 312.

101. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान. क्र. 6, 23, 29, 37, 39, 41, 44, 45, 51, 57, 59, 60, 61, 62, 65, 68, 69.

102. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान. क्र. 10, 11, 13, 14, 15, 16, 17, 18, 19, 37, 49, 60, 61, 66, 67, 77, 82, 84, 93, 101, 103, 104, 107, 108.

103. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान. क्र. 12, 25, 29, 52, 52, 58, 58, 56, 64, 65, 77, 80, 84, 85, 91, 98, 103, 106, 107, 108, 111, 114, 115, 122, 129, 140, 142, 147, 153, 160, 168, 171.

## 5.2 शैली

"*Style is the dress of thoughts*" अशें Classtefind म्हणटात. जाल्यार "*style is man's own*, *it is part of his nature*" अशी इंग्लेज भाशेंत शैलेची व्याख्या मेळटा.[1]

साहित्यांत शैलेचें म्हत्व कितलें आसता हें सांगता आसतना डॉ. कृष्ण ललेहस म्हणटात, "वर्णनाची सुंदरताय कथेच्या प्रवाहाचेर आदारीत आसता. प्रत्येक बरोवप्याची कथा सांगपाची ही पद्दत लेगीत कथा आयकुप्याच्या काळजाक आकर्शीत करता. जाका लागून कथेंत शैलेक खूब म्हत्वाचें स्थान आसता."[2]

भाशाशैले विशीं सांगता आसतना डॉ. अशोक रा केळकर म्हणटात, "बरोवप्याचो विशय हो मनशांचेर (माणसाबाहेरचा असतो) आदारीत आसता. पूण बरोवप्याची भाशाशैली ही सदांच मानसीक आसता. विचारशक्ती, चिंता, अभिरुची हीं व्यक्तीमत्वाचीं तीन मुखेल आंगां जीं भाशाशैलेच्या रुपांत उपस्थीत आसतात."[3]

"विशयवस्तूक सजोवपाच्या हेतान प्रयोगांत हाडिल्ले पद्दतीक शैली म्हणप." अशें डॉ. सुरेश चांगदेव साळुंके मानतात.[4] शैली म्हणल्यार साहित्य बरोवप्यान आपले विचार उकते करपा खातीर वापरिल्ली एके तरेची पद्दत आसता. शैलीचे विंगड विंगड प्रकार आसात, पूण शैलेचे प्रकार कितले आसात वा कितले आसचे हाचेर जाणकारांचें एकमत ना. डॉ. देवकृष्ण मौर्य शैले विशीं सांगता आसतना पांच प्रचलीत शैलींचो उल्लेख करतात.[5] तर डॉ. मंजुळा देसाय चवदा शैल्यांचो उल्लेख करतात.[6] जाल्यार डॉ. सुरेश चांगदेव साळुंके इकरा शैलीं विशीं सांगतात आनी ताचे वांगडाच आनीक दोन शैल्यांचो उल्लेख करतात.[7]

ह्या तिनाय जाणकांरांच्या आदाराचेर कांय मुखेल शैली हांगा हिसबाक घेतल्यात त्यो अश्यो:

- आत्मकथनात्मक शैली
- संवादात्मक शैली

- पूर्व दिप्ती वा प्रत्यवलोकन शैली (flash back)
- विश्लेशणात्मक शैली / मनोविश्लेशणात्मक शैली (psyscho - anaylytic)
- व्यंगात्मक शैली
- प्रतिकात्मक शैली
- मुलाखत शैली (interview)
- डायरी शैली (dairy writting).
- मोनोलोग शैली
- चेतना प्रवाह शैली
- भावकाव्यात्मक शैली
- मुक्तचिंतनात्मक शैली
- फंतासी वा मिथकी शैली

**आत्मकथनात्मक शैली**

हाका 'आत्मपदीय' अशें म्हणटात. तर कांय जाण तिका 'प्रथम पुरूश' शैली अशेंय म्हणटात. ही सगल्यांत चड लोकमोगी आनी पुराणीक शैली प्रकार अशेंय मानतात. समकालीन नवलकाणयेंत वा कथा साहित्यांत हो शैलेचो प्रकार पात्रांच्या अंतर्जगताची जाणीव करपी असो म्हत्वाची शैली प्रकार थारता. हातूंतल्यान बरोवपी आपली व्यक्तीगत अनुभुती अभिव्यक्त करपाक शकता. जाका लागून लेखक वाचप्यां वांगडा सहज आत्मीय संबंद जोडपाक शकता.

**संवादात्मक शैली**

संवाद हो नाटकाचो मुखेल घटक अशें मानतात. संवाद हो नाटकाचो आत्मो. संवादाक लागून नाटकाक नाट्यात्मक शैली मेळटा. बरोवपी कथा मुखार व्हरपा खातीर संवादांतल्यान कथा उद्‌घाटन करता. संक्षिप्तताय, सहजताय, जिवंतताय, प्रसंगानुकूलताय,

भावमान्यताय, संबंद्धताय, अर्थपूर्णताय सारकीं संवादांचीं मुखेल तत्वां. कोंकणी कथेंत ह्या तरांच्या शैलींचो वापर केल्लो मेळटा.

## पूर्व दिप्ती वा प्रत्यवलोकन शैली (flash back)

समकालीन कोंकणी कथा साहित्यांत हे शैलेचो चड प्रभावीपणान वापर केल्लो मेळटा. एकाद्र्या पात्राच्या पूर्वघटीत घडणुकेचेर उजवाड घालपा खातीर फ्लॅश-बॅक टेकनीक वा प्रत्यग्दर्शनाचो वापर करता. फ्लॅश-बॅक टेकनिकेक लागून एकाद्र्या पात्राचे घडणुकेचो उल्लेख करून पात्राचे मानसीक स्थितीचेर चड भर आसता. कोंकणी कथा साहित्यांत हे शैलेंत कथांचे सुंदर नमुने मेळटात. ह्या पद्दतींतल्या चरित्रांचो क्रमीक विकास जाता.

## वर्णनात्मक शैली

ही पोरणे परंपरेंतल्यान चलून आयिल्ली शैली. जेन्ना विशयाक विस्ताराची गरज आसता वा कृती म्हाकाव्यात्मक जावपाक जाय तेन्ना हे शैलेचो प्रयोग करतात. सामाजीक, इतिहासीक नवलकाणयेंत वा कथेंत हे तरेच्या शैलेचो उपेग जाता. तशेंच एकाद्रे व्यक्तीचें वर्णन वा घडणुकेचें वर्णन वा सैमाचें वर्णन करपा खातीर हे शैलेचो उपेग जाता. वर्णनात्मक शैलेची कोंकणी साहित्यांत बेसबरी देख 'सांतु आंतोनिचीं अचर्यां' ह्या ग्रंथांत मेळटा.

## विश्लेशणात्मक वा मनोविश्लेशणात्मक शैली

हो आधुनीक साहित्यांतलो मुखेल असो शैलेचो प्रकार. कथेचे स्थुलतायेचेर, अपेक्षा सुक्ष्मतायेचेर भर दिल्लो आसता. हातूंत कथानक फुडें व्हरपा खातीर, चरित्रचित्रण करपा खातीर आनी वातावरण निर्माण करपा खातीर विचारांची आनी सिद्धांतांची व्याख्या मुखेल आसता. हातूंत मनशाच्या मनोविज्ञानीक विचारांच्या विश्लेशणा वांगडा जिणेचो यथार्थ आनी आदर्श हांचें विश्लेशण जाता. साहित्यांत मनोविश्लेशणात्मक पद्दतींत फ्रायड, एडलर आनी जुंग हांच्या मनोविज्ञानीक निश्कर्शांचो विकास जालो.[8]

## व्यंगात्मक शैली

चालू सामाजीक, राजकी वा हेर परिस्थितींचेर केल्ली उकती टिका वा विडंबन करपी शैली म्हणल्यार व्यंगात्मक शैली.

**प्रतिकात्मक शैली**

कथा साहित्यांत नव्या नव्या प्रतिकांचो वापर करून तातूंत कलात्मकताय हाडपा खातीर प्रतिकात्मक शैलेचो वापर जाता.

**मुलाखत - इंटरव्यू शैली**

हो शैलेचो एक नवो प्रकार. जाचो हालींच कोंकणी कथेंत वापर जावपाक लागला. हातूंत शैली मुलाखत घेवपाच्या रुपांत आसता.

**डायरी शैली**

हो शैलेचो पोरणो प्रकार आसून लेगीत तो अपेक्षे परस नवो प्रकार आसा. कथेंत कांय गजाली वा भावना अशो आसतात ज्यो भावपूर्ण रितींतल्यान वा स्वरुपांतल्यान दुसऱ्याक सांगपाक जायनात तेन्ना हे शैलेचो उपेग करचो पडटा. देखून ही शैली खूब गरजेची आसता.

**मोनोलॉग शैली**

हे शैलींतल्यान पुराय कथा एकाच पात्राच्या माध्यमांतल्यान स्पश्ट जाता.

**चेतना प्रवाह शैली (stream of consciousness)**

हो शैलेचो एक नवो प्रकार. विलियम जॅम्स हो हे शैलेचो प्रवर्तक. हाका इंग्लेज भाशेंत 'स्ट्रीम ऑफ कॉन्सियसनॅस' अशें म्हणटात. ह्या संबंदान डॉ. रजनीकांत जैन म्हणटात, "हे विधी पासून मानसीक विचार अभिव्यक्त जातात. हातूंत मनशाच्या आंतरीक असंबंदांक, अनियंत्रीत भावनांक एका सुत्रांत एकठांय बांदतात. जातूंत मनशाचो भूतकाळ तशेंच आंतरीक भावनांचो सोद लागता."[9]

**भावनात्मक शैली**

कवितेंतल्या भावनात्मक लयेचे शैलेचो गद्यलेखनांत प्रयोग करपाचे पद्दतीक भावनात्मक शैली अशें म्हणटात. कथेंत लेगीत असले शैलेचो वापर जाता.

## मुक्तिचिंतनात्मक शैली

ही एक ललीत निबंदा सारक्या शैलेची जाणीव करपी कथा शैली. हे शैलेचो कथा साहित्याच्या मळार नवो प्रयोग अशें जाणकार मानतात.

## फंतासी वा मिथकी शैली

खंयचेय रचनेचें वा कथेचें विश्लकेशण चड प्रभावी करपा खातीर जेन्ना उतरां उणीं पडटात तेन्ना फंतासी वा मिथकी शैलेचो आदार घेवन बरोवपी बरयता. इंग्लिशेंत हाका 'fantasy' उतराचें पर्यायवाचक उतर म्हूण वापरतात. हातूंत कल्पनेक चड वाव आसता.

## कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांतल्यान विवीध शैलींचो अभ्यास.

"जेन्ना विचारांक तात्वीक रुपकार दिता तेन्ना शैलेचो उदय जाता." अशें प्लॅटो मानता.[10] दर एका कथाकाराची कथा बरोवपाची आपली अशी खाशेली पद्दत आसता. देखून एका थारावीक वेळा-काळा वयलो कथाकार आपले हे खाशेले पद्दतीक लागून कथा सांगपाचे पद्दतींत वेगळेपण जोडटा. तातूंत ताची अशी खाशेली पद्दत आसता.

कथाकार चंद्रकांत केणींचे शैली विशीं उलयता आसतना महाबळेश्वर सैल म्हणटात, "... पूण त्याच काळार बरयल्ले चंद्रकांतबाबांचे कथा शैलीचें सुटसुटीत सोंपेपण प्रासादीकपण घेवन येतनाच वांगडा वास्तवीक पातळेचेरूय खरी थारता."[11]

कथाकार चंद्रकांत केणींचे शैलेच्या प्रयोगा विशीं उलयता आसतना दामोदर मावजे म्हणटात, "शैलेचे नदरेन तांणी व्हडलेशे प्रयोग केल्ले दिश्टी पडनात."[12] कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथासाहित्यांत सरळ आनी सोंपे पद्दतीचे शैलेचो प्रयोग केल्लो मेळटा. तातूंत:

## आत्मकथनात्मक शैली

कथाकार वा कथेंतलें मुखेल पात्र वा खंयचेंय पात्र आपलो कथागत अणभव कथेंत ‘हांव’ च्या माध्यमांतल्यान उकतो जाता, तेन्ना तिका ‘आत्मकथनात्मक शैली’ अशें म्हणटात. कथेंत ‘हांव’ आयलों म्हूण प्रथम पुरुशी प्रेरणेंतल्यान विकास जाता. जाका लागून हाका प्रथम पुरुशी शैली अशें म्हणटात.

चंद्रकांत केणी हांच्यो चडश्यो कथा ह्यो प्रथमपुरुशी शैलेंतल्यान आसात. हे शैलेचो तांणी सुरवाती सावन प्रयोग केल्लो आसा. ह्या संबंदान उलयता आसतना चंद्रकांत केणी म्हणटात, “ही पद्दत हांवें आपणायल्या ती म्हज्या वर्तमानपत्री लिखाणाचो वास कथा साहित्याक येवचो न्हय म्हूण. कथेंतलें मुख्य पात्र ‘हांव’ अशें मानून, हांव मनांत कथेच्या विशया कडेन एकरूप जावपाचो येत्न करतां.”[13]

व्यक्तीच्या अंतर्जगताचेर बरोवप करपाक जाय जाल्यार ताका आत्मकथनात्मक शैलेचो उपेग करचो पडटा. आत्मकथनात्मक शैलेंत मनीस आपले जिणेंतलो अणभव आपूण स्वता सांगता.

आत्मकथनात्मक शैलेंत बरोवपी हिंदींतलो कथाकार से. रा. यात्ती एके कडेन अशें म्हणटा, “आमचे जिणेंत इतल्यो घडणुको घडटात, इतलें कश्टदायक आसता, इतले त्रास आसतात की खंयच्याय भारतीय बरोवप्याक कल्पना करून बरोवपाची गरज ना.”[14] अशे तरेचें मत एके कडेन चंद्रकांत केणी लेगीत दितात. ते म्हणटात, “जायत्या ल्हान-व्हड घटना-प्रसंगां कडेन लागशिल्लो संबंद येता आनी तांचें पडबिंब मनांत पडत आसता. कामाचो वेळ सोंपून देहाची यात्रा थांबता, तेन्ना अंतर्मनाची यात्रा सुरू जाता. ते अवस्थेंत एकाद्रो प्रसंग, संवाद, मनीस, देखावो, विचार हांचो रंवथ मन करूंक लागता आनी तातूंतल्यानूच कथेचें बीं आकार घेवंक लागता.”[15]

बरोवप्याक प्रत्येक संभाव्य प्रयत्न करपाक जाय, जातूंत ताची कथा पूर्ण सत्याचो अभ्यास प्रदान करूंक शकता. जाका लागून कथाकार प्रथम पुरूश शैलेच्या माध्यमांतल्यान पुराय कथा सांगता.

कथाकाराचें ‘हांव’ हें साधारणपणांतल्या सामान्य अर्थांत कथेंत ‘हांव’चें प्रतीक समजतात. देखून पुराय कथेंत ‘हांव’च्या माध्यमांतल्यान पळोवंक मेळटा. ही पद्दत चंद्रकांत केणींनी कित्याक आपणायली हे विशीं सांगता आसतना ते म्हणटात, “ती पद्दत हांवें आपणायली ती म्हज्या वर्तमानपत्री लिखाणाचो वास कथा साहित्याक येवचो न्हय म्हणून. कथेंतलें मुखेल पात्र हांव अशें मानून, हांव मनान कथेच्या विशया कडेन एकरूप जावपाचो यत्न करतां. कल्पनेच्या विश्वांत वावूरतना त्या पात्राच्या सूख-दुख्खां कडेन, हावेस आनी निरशेवणे कडेन, व्यथा आनी वेदनां कडेन समरस जावंक म्हाका सोंपें वता. तें सगलें हांवूच भोगतां अशें म्हाका दिसूंक लागता आनी मागीरच हांव ती कथा बरयतां. ताका लागून खूब फावटीं कांय वाचप्यांक एकाद्री गजाल खऱ्यानीच म्हजे जिणेंत घडिल्ली गजालशी दिसता.”[16]

आत्मकथन हें जिणे कडेन संबंदीत आसता. देखून बरोवपी कथेंत खंयच्या पात्राच्या माध्यमांतल्यान प्रथम पुरुशाची अभिव्यक्ती करता. पूण चडशो कथा आत्मकथन शैलेंत बरयल्यात. तांच्या कथांनी आत्मकथन हें दोन तरांनी येता. पयलें, हातूंत कथेंतलें मुखेल वा हेर पात्र कथेचें आपूण निवेदन करता. जाल्यार दुसरे तरेन कथाकार आपूण स्वताच निवेदक जाता.

चंद्रकांत केणींच्या कथांनी मुखेल पात्रांनी वा हेर पात्रांनी केल्ली निवेदनाची देख घेवची जाल्यार, ‘नातें रगताचें’ हे कथेंत मुखेल पात्र ‘सदा’ कथेचें आत्मकथन करून कथेचो निवेदक जावन कथा मुखार व्हरता ती अशी:

“खूब दिसांनी फाटल्या सोमाराक पुंडलीकाचो फोन आयलो, गौरी चड बरी ना. हॉस्पिटलांत आसा. दोन दिसां भितर ऑपरेशन करचें पडटलें ......

ती खबर आयकना फुडें कामाचेर चित्त लागना जालें. गौरी ही पुंडलीकाचीच बायल. सोबीत आनी गोड स्वभावाची. तसलो हांसतो तोंडावळो चडसो दिश्टी पडना. आनी असले बायलेक देवान पिडा दिल्ली ती काळजाची. तांच्या लग्नाक सात वर्सां जाल्लीं. पूण अजून

घरांत पाळणें धोलूंक नाशिल्लें. गौरीची भलायकी पळयली जाल्यार भुरगें जावपाक समा नासलें. देवान एका हातान दिवन पुंडलीकाक दुसऱ्या हातान नागयिल्लो ........"[17]

तर तांची आत्मकथनात्मक शैली 'आमचे मदली' 'ती' हे कथेंत पळोवंक मेळटा. हे कथेंतलें कथन 'प्रकाश' हें मुखेल पात्र आत्मकथन करता. देखीक: "मिनटांचो कांटो सारको सचेर येयसर हांव बसून रावलों. आमच्या ऑफिसांतले हेर लोक ते आदींच उठून लिफ्टीकडेन पाविल्ले. तांकां ताकीद आशिल्ली. म्हाका घरा बेगीन पावपाची उमळशीक नासता अशें न्हय. पूण साडेपांचांक ऑफीस सुट्टा देखून त्या आदीं हांव जाग्या वयलो उठना. हांव धा मिनटां आदीं गेलों वा पंदरा मिणटां उसरा गेलों म्हुणून ऑफिसांत कांयच बदलचें ना. एकाद्र्या दिसा हांव ऑफिसांतच गेलों ना तरी ऑफिसाचीं कामां जथापथ जायत उरतलीं. पूण म्हज्या मनाक दिसता की ऑफिसाचे नेम आसतात तांकां पळो दिवंकच जाय. म्हज्यान जाता तोवर हांव ते नेम पाळीत आयलां. त्या खातीर ऑफिसांतल्या दुसऱ्या सांगात्यांनी म्हज्यो बकच्छायो वा भगलो केल्यो तरी ताची म्हाका पर्वा दिसना."[18]

'गीत' हे कथेंत लेगीत कथेचें मुखेल पात्र म्हणल्यार कथेचो नायक कथेचें कथन करता. देखीक: "हांव म्हऱ्यांत पावलों तेन्ना तें पोंदची ओली रेंव खरवडून घराची वणत बांदपांत गुल्ल आशिल्लें. हांव आयलां म्हणपाची ताका खबर आसतली, पूण ताणें तशें दाखोवन दिलें ना .... "[19]

कांय कथांनी कथाकार आपूण स्वता आत्मकथन करता. जातूंत कथाकार निवेदक जाता. देख घेवची जाल्यार, 'व्हंकल पावणी' ही कथा. "तांगेलो चलो हेर भुरग्यां परस वेगळो. ताणें तांकां खूब आग्रो केल्लो. ताणें आनी तागेले बायलेनय. ताजी बायल जितली सुंदर तितलीच गुणेस्त आनी मायेस्त. मान मर्यादा सांबाळपी, लज-भीड मानपी, तिका हांसती पळोवंक जाय. पारजताचो पावस झडटा काय दिसता. खळखळ ना. पूण मेकळो हांसो. ती उलयतना आयकूंक जाय. विणेची तार वाजून भायर सरतल्या सुरावरी एकेक उतर मेजून उलयिल्लें. आयकतल्याक दिसतालें की काळजांतल्यान उलयता."[20]

'चम्पावताच्या डाक बंगल्यांत' हे कथेंत स्वता कथाकार आत्मकथन करता तो असो, "चम्पावताक आमची बस सांजवेळार साडेचार वरांचेर पावली. सकाळीं णव वरांचेर आमी लोहाघटाक बसींत बशिल्ले. सगळें आंग आळसावल्लें. हांव सकयल देंवलों आनी आळस झाडलो. ..."[21]

ह्या कांय कथांनी आत्मकथनात्मक शैली दिसता. तातूंत 'म्हाळू पै', 'पयलो शेरमांव', 'गोविंद', 'निशालें दूख', 'कांकणकारालो चेडो'.[22] 'ओलीं पाखां', 'लुसी', 'कथा मोगाची आनी लग्नाची'[23] अशो आसात. ह्या कांय कथांनी आत्मकथन शैलेन आपलें म्हत्वाचें कार्य केलां. ह्या संबंदान योगिनी आचार्य म्हणटा, "घडये तांचो पत्रकाराचो पिंड जाल्ल्यान ही शैली तांकां चड भावल्या आसत. निवेदनात्मक शैलेचो एक धोको आसता. वाचप्यांक वाज येवपाची शक्यताय आसता. पूण चंद्रकांतबाबांच्या कथां सदर्भांत ही गजाल जायना. उरफाटें तांचे कथेची सुरवात ते निमणे मेरेन वाचक कथा कशीच सोडिना. तांचे कथेचो तोल खंयच वचना. एके लयेंत ती कथा फुडें सरता आनी फुलांच्यो पाकळयो फुलच्यो तशीन ती फुलत वता."[24]

## संवादात्मक शैली

शैलेच्या प्रकारांत आनीक एक प्रकार म्हणल्यार संवादात्मक शैली. जशें नाटकांत संवादाक चड म्हत्वाचें स्थान आसता. पूण ह्या संवादाचो कथेंत उपेग करून कथा गतिशील करपा खातीर, चरित्र स्पश्ट करपा खातीर संवादात्मक शैली म्हत्वाची भुमिका करता. कथेंत येवपी संवाद हे ल्हान-व्हड भाव विशयांचेर आदारिल्ले आसतात. देखून ते विंगड विंगड तरांनी येतात. संवादांतल्यान पात्रांची निर्मिती करप आसता. संवादांतल्यान पात्राचें व्यक्तित्व, तांचो सामाजीक वा संस्कृतीक दर्जो, तांची मनस्थिती संवादांतल्यान पळोवंक मेळटा. देखून संवादात्मक शैली कथेच्या प्रसंगाची निर्मिती करपाक म्हत्वाची थारता.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो कांय कथा पुराय संवादात्मक शैलेंत आसात. हे संवादात्मक शैले विशीं उलयतना डॉ. किरण बुडकुले म्हणटात, "...थेंब थेंब संवाद केळोवपाची म्होंवाळ शैली..."[25]

चंद्रकांत केणींच्या कांय कथांनी संवादात्मक शैलेचो विस्तार जाल्लो मेळटा. ह्या संबंदान एक देख प्रस्तूत आसा. कथा ‘रातीच्या धा वरांचेर.’

“आयज रात केली ....

तूं जेवलें?

तूं आयले बगर हांव कशें जेवूं?

तुका हजार खेपो सांगलें, वेळार जेवन घे म्हूण.

तुंवें सांगलें आनी हांवें आयकलें. पूण मन तयार जावं नाका?

मन कित्याक तयार जायना?

तुका बायलेचें मन वळखूंक आयिल्लें जाल्यार तूं एदी रात करपाचोच न्हय.

आगो, पूण तें म्हज्या हातांत आसलें?

आयज ओव्हर टायमाक बसचें पडलें?”[26]

‘पिकिल्लीं पानां’ ही पुराय कथा नाट्यात्मक तरेन संवादात्मक शैलेंतल्यान येता. हातूंतल्या कांय संवदांची देख-

“घोव : आज नुस्तें मोव जालें.

बायल : मोव जावंक ना, बर्फांतलें तें.

घोव : कोण सांगता ना म्हणून? मोंवच तें. सामकें पोवशेल्लें. आजून गळ्याकडेन कचरता.

बायल : तो गुन्यांव नुस्त्याचो न्हय. तुगेले जिरवणेचो. इल्लो लिंबाचो रोस घे.”[27]

तशेंच ‘मांडवी अशीच व्हांवता’ ही कथा पुराय संवादांतल्यान येता आनी संवादात्मक शैलेची एक बरी देख जावं येता. देखीक-

“म्हाका चण्यांच्या झाडार चडोवं नाका.

ना गो, तुज्यान तर, तूं सुंदर दिसता.

खरें म्हणटा?

खऱ्यांनीच तर. फाटले दोन म्हयने हांव तुका पळयतां, तूं सुंदर दिसूंक लागलां.

फकाणां कित्याक करता?

फकाणां करतल्याचें तोंड काळें ... वच आनी हारशांत पळय."[28]

अशे हे संवाद पात्रा नुसार आसात. कथा साहित्यांत कथाकार चंद्रकांत केणींनी केल्ल्या कांय शैली प्रयोगांनी संवादात्मक शैलेचे प्रकार आसात.

## पूर्व दिप्ती वा प्रत्ययलोकन शैली (फ्लॅश बॅक)

कथा साहित्यांत हो चड वापरिल्लो शैलेचो प्रकार आसा. हाका प्रत्ययलोकन शैली वा फ्लॅश बॅक शैली अशें म्हणटात. मनोविश्लेशणात्मक अध्ययनांत पूर्व दिप्ती पद्दतीक म्हत्वपूर्ण स्थान आसा. हे पद्दतींत चरित्राचो क्रमीक विकास जाता. चंद्रकांत केणींच्यो कांय कथा पूर्व दिप्ती शैलेचेर आदारून आसात. देखून तांच्या कथांतलीं कांय पात्रां फ्लॅश बॅक रुपांत कथेंत येतात.

चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथांनी फ्लॅश-बॅक शैलेचो उपेग केल्लो मेळटा. तातूंत 'दिवली' हे कथेची देख घेवपाक जाता. "आयज म्हजे फाटले जिणेंतल्या कितलेशाच खबरींच्या यादींक उमाळे आयले. कारण लायट गेली आनी ही पितुळची दिवली म्हज्या फुड्यांत तीप तीप जळता. थंड आनी बारीक!"[29]

हे संबंदीत आनीक एक देख घेवची जाल्यार 'रुक्मिणी' कथा. ही फ्लॅश बॅक शैलेंत येता ती अशी, "हे गजालीक आतां उणींच म्हळ्यार पंचवीस वर्सां उलगलीं आसतलीं. पयर पणजेच्या प्रासार दोन भुरग्यांक घेवन बशींत चडटले एके बायलेक पळोवन म्हाका रुक्मिणीची याद आयली. हांव तिजेसरी गेलों. तिणें म्हाका पळयलो आनी तोंड फिरयलें. तीच रुक्मिणी आसुंये अशें म्हाका दिसलें. मनांतल्या मनांत हांवें म्हळें, "कशेंय जावं, निमणे कडेन रुक्मिणीक आपलो मार्ग मेळ्ळो आसतलो."[30] तशेंच 'पोस्ट मार्टेम', 'याद आसा', 'लुसी', 'पराजिता'31 सारक्या कथांनी हे शैलेचो प्रयोग मेळटा.

## वर्णनात्मक शैली

हे शैलेचो वापर एकाद्रे घडणुकेचें वा प्रसंगाचें तशेंच व्यक्तीचें वर्णन करपा खातीर करतात. चंद्रकांत केणींच्या कथांनी वर्णनात्मक शैलेचो प्रयोग चड केल्लो मेळना. पूण 'जननी' हे कथेंत वर्णनात्मक शैलेचो प्रयोग केल्लो मेळटा. तो असो, "... काळखे रातीक मळबार जोगूल चकचकिल्लेवरी तांकां दिसलें. सोबीत नागीणीच्या दोळ्यांनी विखाळ मोहिनी आसता तसली ओड तिगेले नदरेंत आसली.... मोहिनी ओंठांचेर देंविल्ल्याचो तांकां भास जालो. .... तानेल्ल्या जिवांक स्वातीचे थेंब मेळ्ळे आनी तांणी ते पियेवन घेतले. पियेवन तांची तान वाडली."[31]

## विश्लेशणात्मक शैली वा मनोविश्लेशणात्मक शैली

कथेंत येवपी मनशाच्या मनांत चलपी भावना विश्लेशीत करपा खातीर विश्लेशणात्मक शैलेचो वा मनोविश्लेशणात्मक शैलेचो वापर करतात. हे शैलेच्या आदाराचेर कथेंत येवपी पात्रांच्या मनाचें विश्लेशण करता आसतना, तांच्यो भावना, उमाळे, हावेस, सुख-दुख्खां हांचें चित्रण करता आसतना ताच्या आंतरीक मनांतल्या विचारांचेर चड भर दिल्लो आसता. चंद्रकांत केणींच्या मोजक्याच कथांनी हे शैलेचो वापर केला, जाका लागून कथेंतलीं पात्रां आपल्या अचेतनामय मनांतले विचार व्यक्त करतात. देख घेवची जाल्यार 'मेकळीक' कथेची घेवपाक जाता.

"कुडींत येवन ताणें पर्स मेजार दवरल्ली आनी हारशा मुखार वचून तें उबें रावलें. हांगां दुसरी तपासणी सुरू जाता. ही मात् 'तपासणी' कशें ताका एकूय दीस दिसलें ना. बत्तीस वर्सांचो, बत्तीस बुरजांचो किल्लो ताणें सारको बरो तपासूंक सुरवात केली. वाडट्या वर्सा बरोबरच किल्ल्याचीं बुरजांय वाडटालीं. आनी ताका लागून जतनायेची जबाबदारीय वाडटाली. पूण कुडीची वाड खुंटूंक लागत सावन दुस्मानाल्या हल्ल्याची भिरांत ताका उणी दिसत राविल्ली. ही जाली मनाची गजाल. पूण सवंयेची जागरूकता तशीच उरिल्ली."[32]

हे शैलेची आनीक एक देख घेवची जाल्यार 'अनोळखी' कथेची घेवपाक जाता ती अशी, "आयज हारशांत वेगळेंच सुधा ताका दिश्टी पडिल्लें. आपूण कशें दिसता हाजें ताजे तकलेंत जें चित्र आशिल्लें त्या सुधाची सांवळी हारशाचेर बी पडूंक ना असो ताका दुबाव आयलो.... एक कुच्छित्र म्हातारी हारशांत रावन सुधाक चाळयताली. माथ्यावेल्या अर्द

पिकिल्ल्या केंसांनी ताचें रूप बदलिल्लें.... तोंडावेल्या मिरयांनी म्हातारपण भरिल्लें. ...स्नो पोव लायलो तरी त्यो मिरयो लिपपाच्यो न्हय... तें कवकवीत.... एक सुस्कार सोडून सुधा येवजिता..."[33]

## इंटरव्यू (मुलाखत शैली)

इंटरव्यू शैली हो शैलेचो नवोच प्रकार. इंग्लीश भाशेंतल्या 'interview' उतराक कोंकणी मुलाखत हें पर्यायवाचक उतर वापरतात. मुलाखत ही दोन मनशां मदीं जाता. एकलो प्रस्न विचारता आनी दुसरो त्या प्रस्नांक जापो दिता. चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथांनी असले शैलेचो प्रयोग केल्लो दिसता. हे शैलेचो प्रयोग केल्ली कथा म्हणल्यार 'रीना जोझेफ'. ही कथा मुलाखत शैलेंत आयल्या. देखीक: रीना जोझेफ, नायक मुखार केबिनांत बसल्यात. मागीर...

"रीना जोझेफ?

हय, मिसेस रीना जोझेफ.

म्हज्या मुखार तिशींतली बायल बशिल्ली...

तूं गोंयची?

ऑफ कोर्स, ... हांव गोंयची धूव ..... पूण म्हजो जल्म कांपालाक जाल्लो.

कॅपिटल ऑफ युगांडा, यू नो."[34]

## डायरी शैली

डायरेंत मनशाचीं व्यक्तीगत गुपितां आसतात. हीं सगळीं गुपितां तो डायरेचेर नोंद करता. सामाजीक बंदनांक लागून कांय गुप्त गजाली सहजपणान व्यक्त करपाक जायनात. देखून तेन्ना डायरी हे शैलेचो वापर बरोवपी करता. जाका लागून तो कांय गुपीत गजाली सहजपणान समजावंक शकता. देखीक, 'मांडवी अशीच व्हांवता' ही कथा डायरी शैलेचेर आदारीत आसा. देखून कथा भागांनी विभाजीत जाल्या. तातूंत देख घेवची जाल्यार हे कथेंत विभागांक नांवां दिल्यांत तीं अशीं. 'एक दीस ऑगस्टांतलो', 'दोन दिसां उपरांत', 'सप्टेंबरांतलो एक दीस', 'ऑक्टोबरांतली एक सांजवेळ', 'दिवाळेची रात', 'आयतार',

'रातीकडेन', 'सोमार', 'तीनसांजेच्या वेळार' अशे माथाळे दिवन तातूंतल्यान कथा मुखार वता.

तशेंच 'खंत ना खेद ना' हे कथें एक, दोन, तीन, चार अशा खंडांतल्यान घडणुकांची नोंदणी जाता.[35]

## मोनोलॉग शैली

मोनोलॉग हो कथाशैलेंतलो नवो प्रकार. हे शैलेंत कथेंतलें एकूच पात्र पुराय कथा सांगता आनी ती सांगता आसतना तें पुर्वदीत घडणुकांचो, प्रसांगांचो, संवादांचो आदार घेत मुखार वता.

'धर्तरी अजून जियेताली' ही पुराय कथा मोनोलॉग शैलेंतल्यान येता. हे कथेंतलें 'मार्टीन' हें पात्र मोनोलॉग पद्दतीन पुराय कथा वाचप्यां मुखार दवरता. देखीक: "म्हजें नांव मार्टीन. जल्मान येवरोपवे. ल्हानपणासावन म्हाका शिकारेचो भारी नाद. फुडें सैन्यांत आसतना जायते फावटीं वाघां-कोल्यांचेर आर्मा जोखपाचो प्रसंग म्हजेर आयिल्लोच. तेंच आर्म मनशाचेर जोखपाचो काळय आयलो. शांततायेच्या वेळार एकाद्र्याचो खून केलो जाल्यार ख्यास्त भोगची पडटा, पूण लडायेच्या वेळार बडटी आनी मान वांट्याक येता!"

हे कथेंत आयिल्ले संवाद लेगीत मोनोलॉग पद्दतींत आसात. ताची एक देख हांगा दितां. "ते चलयेची नदर म्हजेर पडली आनी तिणें गावप थांबयलें. म्हाका दिसलें, पळे, सैनिकांचें अस्तित्वच निसर्गाचें गीत थांबयता." हांवें तिका म्हळें, "गा बाय, गा! तुगेल्या गितांत मनीस जातीन देख घेवपा सारको संदेश लिपला. गा, मोठ्यान गा! हांव जर वाचून उल्लों जाल्यार तुगेलो हो दिव्य संदेश संवसाराच्या कोनशा कणकणीं पावयल्या बगर रावचों ना." ......... ''हीं गितां," अभिमानान ते चलयेन म्हळें, .....[36]

## भावकाव्यात्मक शैली

जेन्ना कथाकार कवितेंतले भावात्मक लयेचें गद्य बरोवप करता तेन्ना कथेंत भावकाव्यात्मक शैली निर्माण जाता. चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत दिसपी हे शैले विशीं उलयता आसतना पुंडलीक नायक म्हणटात, "चंद्रकांत केणीं हांगेल्या कांय कथांनी हांव

प्रभावीत जालां. हांवें त्यो परत परत वाचल्यात. तांगेल्यो खूब कथा वाचल्या उपरांतूय आरंभाक हांवें वाचिल्ली 'धर्तरी अजून जियेताली' ही त्याच नांवाच्या संग्रहांतली कथा म्हज्या काळजांत घर करून आसा. ही कथा वाचतना म्हाका पयली गजाल दिसून आयल्या ती म्हणल्यार, हो बरोवपी एक कवी."[37] तांचे 'धर्तरी अजून जियेताली' हे कथेचे शैले संबंदान हीं मतां लक्षांत घेवप म्हत्वाचें थारता. हे कथेंतली एक देख घेवया.

"आनी ह्या वेळार मुखार पेट्टा तो उजो पळोवंक नज जावन हांव दोंगराचे फाटले वटेनच्यान, धर्तरेचे मांडयेर देंवलों. पांचव्याचार झाडां-झुडपांचेर सवणीं जिणेचें काव्य गायतालीं. सळसळटीं पानां संगिताचे सूर काडून ह्या काव्याक साथ दितालीं. एक ल्हानशीच झर खळखळत धांवताली. तीय नाचताली आपले जिणेची पुर्ती करूंक, हांसत खेळत, नाचत गायत न्हंयेच्या वेगांत वचूंक धांवताली. आनी हांव आजवेरचो हो संदेश विसरून मनशाच्या नांवान मनशाचीच हत्या करतालों !"[37]

## मुक्तचिंतनात्मक शैली

मुक्तचिंतनात्मक शैली हो शैलेचो नवो प्रकार. तातूंत ललीत निबंदाच्या आंगाचेर जावपी कथा आसता, सादें-सरळ दिसप पूण गंभीरपणान जिणेचें सत्य उकतें करप हें कथेचें वैशिश्ठ्य आसता. 'आमलें तोर'[38] ही तांची कथा हे तरेचे शैलेचेर आदारीत आसा. देखीक:

"खरेंच, सोंपत्या भाद्रपदांत आंब्याक तोर लागप हें अप्रुपच. पूण अप्रुपताय फकत न्हय तर सोबीतकायूय म्हजें चित्त ओडून घेता. मळबांत अजून पावशी कुपां दाटिल्लीं आसात. वताचीं किर्णां तांच्यो कडो उजळायतात. आनी माथ्यार न्हावन केंस मेकळे सोडून आयिल्ले एकादे बायलेच्या गालावेले उदकाचे तीन थेंबे कशे तीं आंबलेचीं तोरां चकचकतात."

## फंतासी वा मिथकी शैली

कथाकार चंद्रकांत केणींनी फंतासी वा मिथकी शैलेचो उपेग करून बरयिल्ली कथा म्हणल्यार 'किस्सा मुर्गीका.' कथाकार असल्या कथांनी जिणेचें प्रभावी सत्य कल्पनेच्या माध्यमांतल्यान वास्तवीक जिणेचें चित्र दाखोवपाक असल्या शैली प्रकाराच्यो कथा

बरयतात. 'किस्सा मुर्गीका' ही कथा पुराय काल्पनीक तरेन सर्गांत, देवाच्या दरबारांत घडटा.[39]

जो मेरेन करपाक शकतात तो मेरेन अनुकूल तरेन कथाकार चंद्रकांत केणींनी शैलेचो प्रयोग केल्लो आसा. पूण तांकां आत्मकथनात्मक शैली बरोवपाक चड आवडटाली. जाका लागून दर एके कथेंतलो अणभव हो कथाकाराचो आपलो अणभव अशें वाचप्याक दिसतलें. तशेंच हे शैले वांगडा तांणी दुसऱ्या शैलींचोय प्रयोग आपल्या कथांनी केला.

बरोवपी आपणाक येवपी अणभव कथेंत केथेच्या विशयाच्या माध्यमांतल्यान वाचप्यां मुखार जितो जिवो करपा खातीर शैलेचो आदार घेता आनी कथा वाचप्यांक दिवपा खातीर तो एक आपली अशी विशिश्ठ शैली तयार करता. ह्या संबंदान Robert penn warren अशें म्हणटात, *"the style of a writer represents his stance toward experience, toward the subject of his story; and it is also the very flesh of our experience of the story, for it is the flesh of our experience as we read".*[40]

## **निश्कर्श:**

कथाकार चंद्रकांत केणींनी शैलेचे पद्दतींत तसो व्हडलोसो प्रयोग केल्लो मेळना. तांणी चडश्यो कथा आत्मकथन पद्दतींत बरयिल्ल्यो आसात. हेच बाराबर कांय हेर शैलींचोय प्रयोग केल्लो आसा. हो प्रयोग तांणी कथेच्या विकासा खातीर तर केन्ना कथेंत वातावरण निर्मिती जावपा खातीर जाल्यार केन्ना पात्रांच्या मानसीक स्थितीची जाणीव वाचप्यांक करून दिवपा खातीर केला. तशेंच नव्या आनी पोरण्या शैल्यांचो कांय प्रयोग चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथासाहित्यांत केला.

***

## संदर्भ.


1. Tandon, Neerja A. stylistic. Eastern Book Linkers, Delhi; 1996. पान, क्र. 20.
2. डॉ. हेस, कृष्णालाल. समीक्षा शास्त्र. ग्रंथ मरामबण, कानपूर; 1975; पान, क्र. 901.
3. पुंडे, दत्तात्रय., आनी डॉ. तावरे, स्नेहल. (संपादक). साहित्य विचार. स्नेहवर्धन पब्लिशिंग हावज, पुणे; (दुसरी खेप) 1996. पान, क्र. 70.
4. साळुंके, सुरेश चांगदेव. गिरिराज किशोरी का उपन्यास साहित्य : एक अनुशीलन. अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2004. पान, क्र. 232.
5. डॉ. मौर्य देवकृष्ण. उपन्यास शिल्पी अक्षेय. शैतजा प्रकाशन. कानपूर; 2006. पान, क्र. 54.
6. देसाई, मंजुला. कमलेश्वर की काहानिंयो का अनुशीलन. क्वालिटी बुक्स पाब्लीशर्स एण्ड डिस्ट्रीब्युटर्स; 2002. पान, क्र. 214.
7. साळुंके, सुरेश चांगदेव. गिरिराज किशोरी का उपन्यास साहित्य : एक अनुशीलन. अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर; पान, क्र. 232.
8. डॉ. मौर्य देवकृष्ण. उपन्यास शिल्पी अक्षेय. शैतजा प्रकाशन. कानपूर; 2006. पान, क्र. 57.
9. साळुंके, सुरेश चांगदेव. गिरिराज किशोर का उपन्यास साहित्य : एक अनुशीलन. अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2004. पान, क्र. 72.
10. Tandon, Neerja A. Stylistic. Eastern Book Linkers, Delhi; 1996. पान, क्र. 20.
11. … जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 55. लेख : अस्मितापुरूय : सैल, महबळेश्वर.
12. …. कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 24. लेख : कथाकांत : मावजो, दामोदर.

13. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 5.

14. हिरे, एस. बी. कथाकार से. रा. यात्री : व्यक्ति एवं कृतित्व. अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर; 1993. पान, क्र. 249.

15. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 4.

16. केणी, चंद्रकांत. साहित्य स्वाधयाय. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1986. पान, क्र. 73.

17. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 25.

18. तत्रैव; पान, क्र. 74.

19. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 25.

20. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 9.

21. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 68.

22. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 10, 18, 22, 42, 57.

23. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 33, 66, 94.

24. ... जाग, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, पान, क्र. 22. लेखः म्हका उमजल्ली चंद्रकांतबाबांली कथा : आचार्य, योगिनी.

25. ... कोंकणी, चवथ अंक 2009. पान, क्र. 40. लेखः चंद्रकांत केणी उगडासांत उरिल्सो सुहद आनी सर्जन. : डॉ. बुडकूले, किरण.

26. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 35.

27. तत्रैव; पान, क्र. 101.

28. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 108.

29. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 66.

30. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 53.

31. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 1520.

32. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 5.

33. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 91.

34. तत्रैव; पान, क्र. 46,47.

35. तत्रैव; पान, क्र. 140 - 150.

36. केणी, चंद्रकांत. धर्तरी अजून जियेताली. गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय; 1964. पान, क्र. 31 -35.

37. ... जैत, दिवाळी अंक 2009. पान, क्र. 53. लेख : आधुनीक कोंकणी कथेच्यो बुन्यादी रचनाकार चंद्रकांत... : नायक, पुंडलीक ना.

38. केणी, चंद्रकांत. अळमी. सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1975. पान, क्र. 9.

39. केणी, चंद्रकांत. व्हंकल पावणी. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985. पान, क्र. 132.

40. Steward, Joyce S. and Burkett, Eva M. (संपादक). Introduction reading in literary criticism. Addison Publishing Company Philippnes; 1968. पान, क्र. 157.

# 6. निश्कर्श:

## 6.1. दर एका अध्याया उपरांत आयिल्ल्या निश्कर्शांचेर भासाभास.

## 6.1. दर एका अध्याया उपरांत आयिल्ल्या निश्कर्शांचेर भासाभास.

कथाकार चंद्रकांत केणी हे कोंकणी कथा साहित्यांतले एक म्हत्वाचे कथाकार आसात. आधुनीक कोंकणी कथेचे पिळगेंतले ते एक भोवआयमी कथाकार आसले.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तितत्वाचो परिचय प्रस्तूत केले उपरांत अशें म्हणपाक जाता की प्रसंगानुकूल आसताना लेगीत कोंकणींतलो पयलो साहित्यकार आसा जाणें संपूर्ण कतृत्वाच्या फाटल्यान कोंकणी आनी कोंकणी साहित्य घडोवपाचें संक्रीय कार्य आसा. देखून कथाकार चंद्रकांत केणींच्या व्यक्तितत्वाचो पुराय नियाळ केले उपरांत अशें म्हणपाक जाता की कोंकणी भास आनी साहित्य घडोवपाक आपली पुराय रासवळ जीण खर्च केल्या.

निश्कर्शांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणी हें एक प्रतिभासंपन्न व्यक्तिमत्व आशिल्ले साहित्यकार आनी पत्रकार. तांणी आपल्या अनुभवांचो आदार घेवन कथा साहित्याची रचना केली. चंद्रकांत केणी हांणी आपणाले पिरायेच्या सोळा वर्सा सावन कथा लेखना कडेन आपणाली गांठ बांदली. तशेंच गांधीवादी वैचारीक बसका आशिल्ले कथाकार चंद्रकांत केणींच्या बाह्य व्यक्तितत्वांत आनी आंतरीक व्यक्तितत्वांत समानताय पळोवपाक मेळटा.

चंद्रकांत केणींक एक पत्रकार म्हूण पळेता तेन्ना निश्कर्श रुपांत अशें म्हणपाक जाता की कोंकणींतले वा कोंकणी संबंदीचें पत्रकारितेक तांणी योगदान दिलें तें कोंकणी चळवळीचोच एक वांटो आसा. तांणी राष्ट्रमत दिसाळें सुरू करुन गोंयच्या आस्तित्वाची लढाय सुरू केली. राष्ट्रमत मराठींत आसलें खरें पूण तांचो खरो वावर गोंयकारपणाची राखण आनी कोंकणीचें उदरगतीच्या वावराक आदार होच आसलो. हें कार्य करता आसतना तांणी राष्ट्रमतांतल्यान प्रशिक्षीत पत्रकार गोंयांत घडोवपाचें कार्य केलें. चंद्रकांत केणींनी ‘कुळाकार’ सारके साहित्यीक म्हनाळेंय चलयलें तर ‘ॠतू’ सारके कवितेचें

म्हयनाळेंय उजवाडायलें आनी अशे पत्रकारितेंतल्यान जायत्या नव्या बरोवप्यांक फुडें हाडले. कोंकणी वाचक तयार करपा खातीर कठीण परिस्थितींतल्यान सुनापरान्त हे कोंकणींतलें पयलें दिसाळें तांणी सुरू केलें.

कथाकार चंद्रकांत केणींची जीण भोवआयमी आसली हें तांचें व्यक्तितत्व आनी कर्तृत्व पळेतकूच कळटा. तांणी एकाच वांगडा जायते गद्य साहित्य प्रकार हातळटना आपले भोवमुखी प्रतिभेची वळख आमकां करून दिली. देखून निश्कर्श रुपांत तांकां आमी ध्येयधर्मी रचनाकार म्हूण मानूंक शकतात. देशी विदेशी भाशेंतल्यान जायत्या साहित्यकारांच्या रचनांचे अणकार करून कोंकणींत हाडल्यात. पूण ह्या सगळ्यां मदीं ते एक कथाकार म्हूण उरले. तशेंच साहित्यीक प्रकाशनाचे नदरेन कोंकणींत पुस्तकां उजवाडावपाचें धाडस त्या काळार कोणूच करिनासलो अशा वेळार चंद्रकांत केणींनी हें करून दाखयलें. देखून साहित्य सृजन करता आसताना आपले भोवमुखी प्रतिभेचेंय करून दिल्लें आसा.

निश्कर्श स्वरूपांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणी हे अशे प्रतिभा संपन्न साहित्यकार आसले जांणी आपल्या अनुभवांच्या आदाराचेर साहित्य निर्मणी केली. कोंकणी कथेंत दिल्ल्या योगदानाक लागून कोंकणी कथेचो आद्यजनक म्हूण पाचारतात. जिणेंतल्या विंगड विंगड अनुभवांक तांणी स्वता अणभवले, ते जीण जियेता आसतना ते अणभव बरोवन दवरले. जाका लागून सारको सादो वा सारको किरकोळांतलो किरकोळ अणभव लेगीत तांचे कथेंतलो विशय थारता. ते जिणेंत फकत कथाकार नासले तर ते बहुश्रूत, भोवभाशीक, प्रगतिशील विचारवंत, अणकारपी, संपादक, कुशल वक्तो, वांगडाच एक लेखक पूण हाजें मदीं ते एक पत्रकार आनी कथाकार म्हूण उरले.

मनशाचे व्यक्तितत्व निर्मणेंत परिस्थितीची म्हत्वपूर्ण भुमिका आसता. मनीस ज्या समाजांत, परिवेशांत आनी वातावरणांत रावता, ताचो प्रभाव निश्चित रूपांत ताच्या व्यक्तित्वाचेर पडटा. कथाकार चंद्रकांत केणींचो जल्म गोंयांत जालो आनी तांचें सगळें भुरगेपण लेगीत गोंयातूंच गेलें. त्या काळांत गोंयांत पुर्तुगेझ राजवट आसली. पूण त्या काळा

वयल्या परिस्थितीचो अभ्यास केले उपरांत असो निश्कर्श काडपाक जाता की परिस्थिती अनुकूल आसून लेगीत ते परिस्थितींत कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपली साहित्य साधना चालू दवरली. गोंय मुक्ती वेळार चंद्रकांत केणींनी दिल्ली सावन 'गोआ समाचार केन्द्र' चालू करून गोंयच्या प्रस्नांचेर उजवाड घातलो.

युगीन परिवेशा अंतर्गत भोंवतण, वातावरण आनी परिस्थितीचो प्रभाव हांचो अभ्यास केले उपरांत निश्कर्श रुपांत अशें म्हणपाक जाता की, कथाकार चंद्रकांत केणींचें युग म्हळ्यार गोंय, कोंकणी आनी कोंकणी साहित्या भोंवतणी चड बांदून उरलां. महात्मा गांधीच्या अस्थी विसर्जना वेळार केल्ल्या उलोवपांतल्यान तांकां कोंकणीचो पयलो दिश्टावो जालो. तशेंच आधुनीक भारताचे निर्माते म्हूण पाचारपी आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचो प्रभाव तांचे जिणेचेर पडलो.

कोंकणी युगीन परिवेशा अंतर्गत विचार करता आसतना दिसून येता की गोंय मुक्त जातकूच गोंयांत वाद सुरू जालें. ह्या वादाचो मुखेल केन्द्रबिंदू गोंय, कोंकणी भास आसलो. गोंयच्या वेगळ्या अस्तित्वा खातीर झुजप्यां मदीं मुखेलपणान चंद्रकांत केणी आसले. कोंकणी चळवळींतले अश्ठतासी व्यक्तीमत्व असो हांगा निश्कर्श काडपाक जाता. कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य संस्कृती, पत्रकारिता ह्या मळां वयलो म्हालगडे सृजनकार आनी प्रतिभावंत व्यक्ती आसले. ह्या वेगळ्या 'राष्ट्रमत' ह्या पत्राच्या माध्यमांतल्यान केल्लो वावर तर देखदिणो थारता. तातूंत 1967च्या ओपिनियन पोला वेळा वयलें कार्य हें म्हत्वाचें थारता. त्या वेळार 'राष्ट्रमताचें' संपादन हें कठीण परिस्थितींतले आव्हान आसले. सत्तेर विलिनीकरणवादी सरकार. ताचे फाटल्यान महाराष्ट्र राज्याची पुराय शक्त. हिंदू समाज आंधळे भावनेन घुसपल्लो. दिसाळें मराठी पूण पुरस्कार कोंकणीचो करतालें. संपादक ह्या नात्यान हांगा चंद्रकांत केणींचें योगदान व्हड आसा. कित्याक हिंदू समाजाच्या एका वांट्याचें जें मतपरिवर्तन जालें आनी गोंय जनमत कौल जिखूंक पावलें ताचें खूबशें श्रेय राष्ट्रमताक फावता.

गोंयांत कोंकणी चळवळ चलता आसताना गोंया भायल्या कोंकणी समाजाक संघठीत करपाचो वावरूय चंद्रकांत केणींनी केलो. कर्नाटक, केरळ आनी महाराष्ट्रांत

शिंपडिल्ल्या कोंकणी मनशांक एका सुत्रांत बांदपाच्या कामाक ते लागले आनी तांकां सगळ्यांक एकेच माचयेर हाडले. हें संघटीत काम करता आसतना चा. फ्रा. डिकोश्ता हांच्या पालवान मंगळुरांत कोंकणी भाशा मंडळाची स्थापणूक केली.

1960 दसकाचे अखरेक कोंकणी भाशा मंडळाचो वावर बंद पडलो. ते संस्थेची तशी दशा जावपांत कोंकणी चळवळीचें लुकसाण आसले. अशा वेळार चंद्रकांत केणींनी आपूण फुडाकार घेवन ती संस्था पुर्नजिवीत केली. कोंकणी भाशेक प्रतिश्ठेची सुवात दिवपाच्या कामांत मुखेल म्हळ्यार साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळोवपाच्या वावरांत चंद्रकांत केणींचें योगदान लाबला. राष्ट्रभाशे विशीं चंद्रकांत केणी आदर्श आसले आनी तिची उदरगत जावची म्हूण ते वावूरले.

देखून निश्कर्श रूपांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणींनी ओपिनीय पोला वेळार वयले कार्य, तशेंच कोंकणी समाजाचे संघठनेचें कार्य, कोंकणीच्यो तरेकवार चळवळी, तातूंत साहित्य संमेलनां, परिशदो, मंगळुरांत कोंकणी भाशा मंडळाचे संस्थे वांगडाच साहित्य अकादेमीची मान्यताय, संविधानाच्या आठव्या परिशिश्टांत कोंकणीचो आस्पाव सारक्या घडणुकांनी चंद्रकांत केणींचें तोलामोलाचें योगदान आसा.

कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत गोंय, गोंयचो वाठार, मनशां वा समाज खूब मर्यादीत स्वरुपांत येता. निश्कर्श स्वरूपांत ह्यो कथा प्रादेशीक कथा म्हणपाक सभ्य जावचें ना. कारण तांच्यो कथा म्हळ्यार संवसारीक पांवड्या वयली बसका आसा. कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो चडशो कथा ह्यो एका थारावीक वाठारांत घडनात. केन्ना काश्मिरांत तर केन्ना मुंबय सारक्या वाठारांत घडटात, तशेंच भास, भेस आनी वातावरण कथेंत दिसता. देखीक ‘कश्मिरांतली कळी’, ‘चीना पीक’, ‘चम्पावतच्या डाक बंगल्यांत’ आनी ‘मुग्धा’ सारक्यो कथा घेवपाक जाता.

चंद्रकांत केणींच्या कथांनी गोंय सोदपाचो यत्न केलो जाल्यार गोंय हो वाठार कांय मोजक्याच कथांनी दिसता. तातूंत येवपी वाठार कांय मोजक्याच पात्रांच्या तोंडांतल्यान येवपी भास ही गोंयच्याच प्रांताची गवाय दिता. कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्याचो

विचार करून तातूंत गोंय सोदपाचो यत्न केलो जोल्यार तातूंत पयले सुवातेचेर हें मतींत दवरपाक जाय की चंद्रकांत केणींचे कथेंत ही संवसारीक तत्वां आसात. जाका लागून तांच्या भोव थोड्या कथांनी कांय कडेन गोंय मोजक्याच स्वरूपांत पडबिंबीत जाता. देखून अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथा साहित्यांत गोंय मोजक्याच प्रमाणात पडबिंबींत जाता.

आधुनीक देवनागरी कोंकणी कथेंची सुरवात जरी शणै गोंयबाबाचे हस्तुकी जाली आनी उपरांत वोवळां सारक्या कथा संग्रहांतल्या कथेंक नवी वाट करून दिली ती चंद्रकांत केणी हांणीच. तर कांय जणकार शणै गोंयबाबाच्या ह्या कथांक आधुनीक कथा म्हणप कांय ना हांचेर दुबाव दाखयतात. जाका लागून जाणकारां मदीं वाद आनी दुबाव आसून एकमत ना. कांय जाणकार चंद्रकांत केणींक कोंकणी कथेचो आदीजनक म्हणटात. पूण निश्कर्श रुपांत अशें म्हणपाक जाय की कथाकार चंद्रकांत केणींनी आधुनीक देवनागरीक कोंकणी कथेची मुळावण घाली आनी कोंकणी कथा वाडची, फुलची म्हूण तांणी इतली काळजी घेतली आनी कोंकणी कथा हेर भाशेंतले तुलनेंत फाटीं उरची न्हय म्हूण तातूंत नवे नवे प्रयोग केल्यात.

कथाकार चंद्रकांत केणीचें साहित्य पळेता आसतना आमकां दिसून येता की कथाकार चंद्रकांत केणींनी जिवीतभर जें पळयलें, आयकलें आनी जें अणभवलें तें आपल्या साहित्यांत चड प्रमाणांत चित्रीत केलें. कांय ल्हान किरकोळ घडणुको वा प्रसंग लेगीत कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या अनुभवाच्या माध्यमांतल्यान कथा साहित्यांत चित्रीत केल्यात. जे तांणी खंय तरी पळयिल्ले वा अणभविल्ले. भारतीय संस्कृतीचो प्रभाव तांच्या कांय कथांनी दिश्टी पडटा. देखूल चंद्रकांत केणींचे अणभवविश्व व्यापक आसा. कोंकणी कथेच्या इतिहासचेर नदर दवरून नियाळ करून पळयलो जाल्यार अशें दिसून येता की, कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेंची सुमार स दसकां साहित्य निर्मणी करून कोंकणी कथेची सेवा केल्ली आसा.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या समकालीन कथाकारां मदीं आपली अशी विशिश्ट वळख आनी खाशेलेपणां राखून दवरल्यांत. कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो कथा मध्यमवर्गी समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात. तांचें कथासाहित्य मध्यवर्गी अनुभुतीचेर आधारीत आसा.

20व्या शेंकड्याच्या स दसकांत अखंडपणान कथा लेखन करपी कथाकार ह्या रूपांत कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपलें अशें खाशेलेपण राखून दवरलां. तशेंच कांय खाशेलेपणां तांचे कथेंत दिसपी म्हळ्यार 'संवसारीक तत्वां' आसात. गोंयच्या मनशाचें वर्णन कांय मोजक्याच प्रमाणांत कथेंत आसलें जाल्यार लेगीत तांच्यो कथा सगळ्या संवसाराक लागपी अशो विश्वव्यापक आसात. कथाकार चंद्रकांत केणींच्या कथांक अमुकूच एके तरेची फाटभूंय अशी लागना, कारण तांच्या चडशा कथांक सामाजीक, संस्कृतीक फाटभूंय ना. देखून गांवगिरे, देशी, विदेशी मळावयले सगळे विशय तांच्या कथांनी दिश्टी पडटात. देखून निश्कर्श रूपांत अशें म्हणपाक जाता, कथाकार चंद्रकांत केणींच्या लघुकथांचो विचार करता तेन्ना विशय आनी वातावरण कथेक संवसारीक तत्वा कडेन जोडटा.

अस्तुरी कडेन पळोवपाचो दृश्टिकोण जो मेरेन परिवर्तीत जायना तो मेरेन अस्तुरीचेर अन्याय जायत रावतलो, कारण सामाजांत सगळ्यांत चड दुख्ख भोगता ती अस्तुरी, अशा विचारांचे कथाकार चंद्रकांत केणी आसले. देखून कथाकार चंद्रकांत केणींचे लघुकथेंत अस्तुरेचीं विवीध रूपां दिसतात. तांचे कथेंतली अस्तुरी एकले भशेन दुसरी ना. कथाकार चंद्रकांत केणींच्यो नायिका पिरायेन मध्यम, घडये हे पिरायेचेर संभाशण उकतेपणान करप सोंपें जाता वा खासगी गजाली सांगतना लजभीड आड येना म्हणून जावंये. चडशो अस्तुरी दिसपाक सुंदर, आंगलोटीन रेखीव आनी पुरुशत्वाक आव्हान दिवपी अशो आसात. चंद्रकांत केणींच्या कथेंतले चडशे नायक नायिकांचे तुळेन संस्कार सभ्यताय, लज, संकोच, भंय आनी कांय चेपणाखाला वावुरतना दिश्टी पडटात. देखून निश्कर्श रूपांत अशें म्हणपाक जाता की कथाकार चंद्रकांत केणीचीं पात्रां चडशी उच्च मध्यम वर्गांतल्यान येतात. तांचीं अस्तुरी पात्रां चड करून संघर्शशील, शिक्षीत, असामान्य आव्हानां पेलपी,

प्रचंड इत्साशक्त आशिल्लीं आनी तांच्या आपल्या जिवा विशीं पळोवपाचें वेगळें तत्वगिन्यान आशिल्लीं, तशींच तीं स्वंतत्रताये वांगडा शारिरीक, मानसीक स्वतंत्रताय सोदतात आनी केन्ना जी जीण वांट्याक येता ती आपखोशयेन स्विकारतात.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथेंत कांय प्रयोग केल्यात. देखून हें स्पश्ट आसा की कथाकार चंद्रकांत केणी कोंकणी कथेंत 'नव्या कथांचे' प्रमुख कथाकार आसात. कोंकणी कथेंत तांणी जे प्रयोग केल्यात तातूंत तांणी कोंकणी कथेक चड समृद्ध केल्या. देखून अशें म्हणपाक जाता की, कथाकार चंद्रकांत केणींनी कोंकणी कथा खंयचेच तरेन हेर भासांचे तुळेन फाटीं उरची न्हय देखून हे प्रयोग केल्यात. अशे तरेन आपले लेखणेंतल्यान कोंकणी कथेक समृद्ध केल्या.

पुरायपणान मोटवी लघुकथा हो प्रकार कथाकार चंद्रकांत केणींनी हाडलो. कथे भायर तांणी कोंकणी कथेच्या मळार अनेक प्रयोग केल्यात, ते म्हळ्यार 'कथिका'. मोटव्या कथां परस ल्हान, देड दोन वा चडूच जाल्यार तीन पानांनी आसपावपी अशें ते कथिकेचें स्वरूप तांच्या 'कथिका' आनी 'मेघमल्हार' ह्या संग्रहांनी पळोवपाक मेळटा. 'दवा थेंब' ह्या ल्हानशा संग्रहांत चंद्रकांत केणींनी गुरूदेव ठाकुरांच्या अणकारीत कथिकां वांगडा आपणाल्योय कांय कथिका दिल्यात. निश्कर्श स्वरूपांत जेन्ना कथिका ह्या कथासाहित्या कडेन पळयता तेन्ना चंद्रकांत केणी कथिकेचे जनक अशें म्हणपाक जाता. साध्या घडणुकांक तांणी कथिकांचें सुंदर रूप दिलां.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथांनी आपणालेच अणभव जिवे तट्टटीत करून सांगपी भास वापरल्या. हिंदी, मराठी, इंग्लीश आनी ज्या भासांतल्यान वाचप उलोवप जालें त्या भासांचो पोशक परिणाम तांच्या कथांनी दिसतात. हेर भारतीय भासांनी वापरतात तीं सामान्य उतरां आनी कोंकणी भाशेच्या सभावा कडेन जुळटात असलीं उतरां घेवन तांणी साहित्य रचलां, अशें करतना कांय कडेन भोव करून किरिस्तांव पात्रांच्या संवादां कडेन पावतकच तांची भास अडेची कशी दिसता पूण घडये वाचपाचे प्रक्रियेंत थळावी बोली भास आडखळ हाडिना हो कांय वाचकांचो अणभव लक्षांत घेवन संवाद सुटसुटीत जावचे ह्या हेतुनूच तशें करताले जावंये. देखून तांच्या कथांनी सादी आनी सरळ भास मेळटा.

साधी भास आसून लेगीत तातूंत ल्हान ल्हान सादीं वाक्यां मेळटात. पात्रानुकूल भाशे अंतर्गत पात्रां कोंकणी भाशे वांगडा हेर भाशेंतल्यान संवाद सादतात. कथाकार चंद्रकांत केणींचे कथेंत येवपी वाक्यां हीं चड करून ल्हान ल्हान आसतात. तातूंत तीं सादीं आनी सरळ अशीं, पूण तातूंत जोखतींच उतरां आसतात. तशेंच तांच्या कथासाहित्यांत हिंदी, अरबी, फारसी, इंग्लेज, संस्कृत तशेंच मिश्रीत शब्द प्रयोग मेळटात. शब्दप्रयोगा अंतर्गत तत्सम शब्द, तद्‌भव शब्द, देशी वा स्थानीय शब्द मेळटात, वांगडाच अरबी, फारसी, इंग्लेज, पुर्तुगेज, हिंदी, मराठी, संकर शब्द मेळटात. शब्द युग्माच्या प्रयोगा अंतर्गत संयुक्त, तशीच विभिन्न शब्दावळ मेळटा. तशेंच म्हणी वा ओपारी वांगडा वाक्प्रचारांचो वापर तांच्या कथांनी दिसता.

कथाकार चंद्रकांत केणींनी शैलेचे नदरेन चड व्हड प्रयोग केले नात तरी आपलें अशें खाशेलेपण राखून दवरलां. कथाकार चंद्रकांत केणींची निवेदन पद्दतीची शैली सादी. सरळपणान कलानुक्रमान ते प्रसंग सांगत वतात. कलात्मक परिणाम सादपा खातीर चड करून आदलें पयलीं आनी पयलीचें आदीं सांगतात. पूण कथेचें निवदेन करता आसतना ते वेगळी भुमिका करिनात वा तशेंच करप तांकां गरजेचें अशें दिसना. निमणे कडेन निश्कर्शाचेर पावता, कथाकार चंद्रकांत केणींनी आपल्या कथा संग्रहांत चड प्रमाणांत आत्मकथन शैलेचो प्रयोग केला. पूण ह्या शैली प्रयोगा वागडां तांणी कांय नवे नवे शैलेप्रयोग केल्यात.

***

# 7. परिशिश्ट आनी सुची.

## 7.1. परिशिश्टः चंद्रकांत केणी वांगडा केल्ली भासाभास.

## 7.2 आदारावळ.

## 7.1 परिशिश्टः चंद्रकांत केणी वांगडा केल्ली भासाभास.

प्रस्न : तुमच्या भुरगेपणांत गोंयची सामाजीक परिस्थिती कशी आसली? आनी सामाजीक परिस्थतीचो तुमच्या व्यक्तिमत्वाचेर कसो प्रभाव जालो?

जाप : ल्हानपणा सावन कांसावले गांवाची म्हाका वळख जाली. गांवांत वेगळेपण, मदीं दोंगुल्ली आनी रेमेदीचे दोंगुल्ले भोंवतणी चारूय दिशांनी चार वाडे. कांसावली, आरशी, कुळेले, पाळी, वेळसांव अशे सलग गांव एकामेका कडेन बांदिल्ले आसात. जंय हांव रावतालों थंय सावन हें कपेल दिसता. एका आंब्याची सत्री धरल्या, जशीं बागेंत मोगरीं फुल्ल्यांत तशें. म्हजे पयले-वयले संस्कार हांगां जाले, त्या चार गांवांनी वचपाक वेगळेवेगळे मार्ग - 'पांजा' म्हणटात तातूंत, खंयचेय पांजींत वयर सरल्यार निमाणे कडेन आमी दोंगुल्लेचे तेंगशेर पावतात, थंय व्हडलें पठार आसा. ल्हानपणांत म्हजे वळखीचो एक रेंदेर - 'इस्तो' हाणें म्हाका सांगलें, खंयचेय वटेन वच निमणे सायबीणी म्हऱ्यांत पावतात, ह्या साद्या प्रसंगाचो प्रभाव म्हजेर खूब पडलो. त्या निरक्षर रेंदेराक जें समजतालें तें व्हडल्या राजकीय फुडाऱ्यांक लेगीत समजनासलें अशें म्हाका तरी दिसलें. जर त्या रेंदेराक साधन सुविधा मेळिल्ल्यो जाल्यार, धर्मा-धर्मा मदीं भावपण वाडोवपाची कार्यावळ तो खूब फुडें व्हरूंक शकतलो आसलो. पूण तेन्ना किरिस्तांव वस्ती चड आसली आनी 5% हिंदू आसले. खंयच्याय वाड्यार गेलो जाल्यार हेंच चित्र दिसतालें. किरिस्तांव भाव आनी भयणी हिंदूंच्यो भावना वळखून तांच्या वेव्हारांत कसली अडचण येवंक दिनासलीं. सामान्य हिंदू मनशाचीं सूख-दुख्खां मनाचो घुस्मटमार मेकळो करतालीं. हांगा देवूळ नासलें. एकूच इगर्ज आसली. ताका लागून क्रिस्ती सामाजाचे भुरगे संघटीत जावन असलीं सार्वजनीक कार्यां करून हाडटाले. फेस्तां, इंत्रूज सारके दबाजे ते घडोवन हाडटाले आनी मुजरत हिंदू भुरग्यांक आमंत्रण दिवन आपयताले. आनी अविचारी मनशान कोंकणो (हिंदू) म्हूण हिणसायलो तर उरिल्ले सगळे किरिस्तांव भाव ताका मारूंक धांवताले. असलें धर्मातीतपण तेन्ना आसलें, तेंच अजुनूय गोंयांत पळोवंक मेळटा. देखून म्हज्या कथा साहित्यांत हिंदू तशींच किरिस्तांव पात्रां आसतात. दर एका

कथानकाचें सूत्र जुळोवन घेता आसतना म्हज्या दोळ्यां मुखार हांव वळखतालों अशें न्हय पूण हांवें लागशिल्ल्यान पळयल्लीं पात्रां वा तांच्यो खबरो आयकल्ल्यान पात्रां म्हज्या कथांनी येतात. हायस्कुलांत शिक्षणाच्या निमतान हांव मडगांव आयलों. मूळ घर मडगांव आशिल्ल्यान कांसावले गांवा कडेन संबंद तुटलो. पिरायेच्या 17-18 वर्सां मेरेन कांसावली गांवा कडेन अखंड संबंद उल्लो ना. उपरांत मुंबय, थंय नवें जग पळयलें, नवीं पात्रां आनी तांचे खेळ थंय दिसले. एका नवो canvass म्हज्या दोळ्यां मुखार उक्तो जालो आनी ताची भव्यताय दिव्यताय पळोवन हांव विस्मीत जालों.

प्रस्न : तुमी दिल्लीक, मुंबय रावल्यात, थंयचो युगीन परिवेश कसो आसलो?

जाप : कांसावलेच्यो यादी येताल्यो आनी दोळो लागलो जाल्यार थंयचीं सपनां पडटालीं. मुंबय आनी दिल्ली खूब आव्हानां पेल्लीं, खूब अप्रुपां पळयलीं. जवाहरलाल नेहरू, काकासाहेब काललेकार, रवीन्द्र कुमार आनी विष्णू प्रभाकर हांच्या सहवासांत येवपाचें भाग्य मेळ्ळें पूण जेन्ना हांव एकलों उरतालों तेन्ना गोंयची याद सतायताली आनी कांसावलेचीं तीं सुर्वेचीं वर्सां दिमकुऱ्यांनी चलत येतालीं. हांवें कथा बरयल्यो त्यो ह्या वातावरणांत. एकाद्र्या तेऱ्याच्या पानार दवाचो थेंब पडचो आनी उदेंते कडल्या वतांत तो वज्रावरी चकचकचो, काडूंक गेल्यार तो कळसणचो, सुळसुळून सकयल पडचो आनी पळयतां पळयतां नाच जावचो तशे अणभव हांव घेवंक लागलों. मुंबय, दिल्लीच्या समाजा विशीं म्हाका आस्त वा आपलेपण केन्ना दिसलेंना. पूण तांचें एक विश्व आसा हें पळयलें. दिल्लीक आसतना हांवें पळयलें की भौतीक समृध्दी जेन्ना मनशाक घेरता तेन्ना ताचें मन अशांत जाता आनी घराच्या संवसाराक नड लागता. व्हड व्हड पदांचेर आशिल्ले आनी गिरेस्तकाय जांच्या घरांनी उपाट भरून रकताली अशा लोकांच्या मनाचे तळमळे थंय हांवें लागशिल्ल्यान पळोवन, तांच्यो व्याथा पळोवन म्हाका एका नव्या संवसाराचें दर्शन घडलें. अस्वस्थतायेन घेरिल्लीं आनी समादानाच्या मृगजळा फाटल्यान धांवतलीं हीं मनशां म्हज्या कथांनी झळकतात. तीं उमेदी आसात पूण कांय जाण तळ्यांत रावुनूय

उदकाक तानेल्यात, कांय जाण सत्ता आनी पयसो हांचे व्यथेंत कुड्डे जाल्यात. संस्कृतीचो अनादर करून आनी येवरोपी अमरिकेचें अनुकरण आपणायलां, तांचे उमाळे आनी उत्फर्के आनी अयोग्य पद्दतीन सूख मेळोवपा खातीर केल्ले धडपडीक खिणांत समको ओतो येता हेंवूय हांवें पळयलें. सभ्यता, शिक्षण आनी अधिकार मेळोवन समृध्द जाल्लीं मनशां जेन्ना धूंद जातात तेन्ना तीं न्याय नीत विसरतात. कुटुंबांतल्या नात्याक काजळ फासतात आनी जनावरां भशेन नर मादी हांची जीण जगतात हें पळयलां. 'दंद्व' हांवें अणभवलें तेन्ना सगळें मोल ताक घुसळायता तशेंच जालें. हातूंत विरोधाभास नदरेंत भरत, कांसावलेचे सादे लोक आनी दिल्लीच्या लोकांचीं वेगवेगळीं चित्रां, रूप, प्रकृती एक आसुनूय दिल्लीच्या सुसंस्कृत समाजान विकृती कशी बळावल्या हें दाखोवपा खातीर हांवें खूबशो कथा बरयल्यात आनी मनाचें फुलोवप थंडावचे खातीर कांसावलेच्या घडणुकांचेर आदारून कथा बरयल्यात.

प्रस्न : तुमची कथा वेगळी कशी?

जाप : म्हजी कथा वेगळी कशी? तातूंत काणी ना, तातूंत तथ्य आसा. जें सांगपा सारकें तें तथ्य. तातूंत मुखेल हेतू मनांतल्यो भावना वाचकांक कळोवपाचो. त्यो मीठ मिरसांग लावन कळीत करूं येतात पूण हांवें दुसरो पर्याय पत्करलो. कथेचो गाभो सोदूंक गेल्यार एकेके कथेंत लोकांचीं सूख-दुखखां जें अणभवलां, जें पळयलां अशा आशयाचेर कथा बरयिल्ल्यो आसता. लोणी काडटना परत तें ताकांत घालचें न्हय हो म्हजो प्रयत्न. अशे प्रयोग दुसऱ्या भासांनी जाल्यात. असले हांवें खूब प्रयोग केल्यात. म्हजे कथेंत गोंयचे मातयेचो वास येना अशी कगाळ आसा हें 100% खरें न्हय. खिणभर चकचकतें एक नखेत्र येता आनी वता तें खंयच्यान आयलें, खंय वता हाचो प्रभाव आमचेर पडटा ते तरेची म्हजी कथा.

प्रस्न : आचार्य काकासाहेब कालेलकार हे तुमच्या जिविताचेर प्रभाव घालपी व्यक्ती अशें तुमी मानतात? तांच्या सहवासांत आयिल्लो तुमचो अणभव?

जाप : मुंबय आसतना हांव आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांच्या संपर्कात आयलों. मुंबय आकाशवाणीच्या कोंकणी विभागांत काम करता आसतना आचर्य काकासाहेब कालेलकारांनी म्हाका दिल्लीक आफयलो. फाटलो फुडलो विचार करिनासतना हय म्हळें आनी दिल्लीक गेलों. आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत (सान्निध्यांत) रावप म्हळ्यार एकद्र्या विद्यापिठांत प्रशिक्षण घेवपा सारको अणभव. ते प्रचंड वाचन करताले. वाचिल्ल्या पुस्तकांची माहिती दिताले. वेगवेगळ्या भासांनी बरयताले. हांव चडसो तांच्या म्हऱ्यांत बसून डिक्टेशन घेतालों. मराठी-इंग्लीश घेवपाक म्हाका त्रास जाय नासले पूण हिंदी येताली तेन्ना तत्सम उतरां आनी दुसरे भाशेंतलीं उतरां म्हाका समजनासलीं. उपरांत गुजराती बरोवन घेवपाचो प्रसंग आयलो. हें काम हांव बरें तरेन करूंक लागलों. तेन्ना आचार्य काकासाहेब कालेलकारां कडल्यान हिंदी, मराठी, गुजराती, आनी इंग्लीश ह्या चार भासांनी शुद्ध बरोवपाचें शिक्षण म्हाका मेळ्ळें. खंयचें विद्यापीठ तशे तरेचें प्रशिक्षण म्हाका दिता आसलें? आचार्य काकासाहेब कालेलकारांचे भाशेचो परिणाम म्हजे लेखणेचेर जालो. आचार्य काकासाहेब कालेलकार उतरांचे जादुगार आसले. तांच्या दर एका उतरांत अर्थ लिपून आशिल्लो तर दुसरे वटेन तांच्या उतरांचीं वेगवेगळीं तासां ते आपल्या बरपांतल्यान उकतायताले. ताका लागून उतरांचें मूळ कूळ सोदपाची संवय म्हाका जाली आनी एके भाशेंतलें उतर दुसरे भाशेंत उपकारावचें कशें तें हावें शिकून घेतलें. दिल्लीच्या तरेकवार भासांचे व्हड-श्रेश्ठ बरोवपी, विचारवंत, राजकी फुडारी हांच्यो वळखी जाल्यो. खूबशे इश्ट जाले. आचार्य काकासाहेब कालेलकारां वांगडा भारतीय यात्रा केली, ते विशीं प्रवासवर्णनांय बरयल्यांत. म्हजे विचार हांगा विस्तारीत जावपाक लागले.

प्रस्न : गोंय स्वातंत्र्या उपरांत खूब बदल घडून आयलो हे विशीं तुमचे विचार कितें ?

जाप : गोंयाक स्वातंत्र्या बरोबर जबाबदारी आसता हे लोकांक खबर नाशिल्लें. दांबून दवरिल्ली spring सोडून जे तरेन ती उसळटा तशी स्थिती लोकांची जाल्ली. आमका स्वातंत्र्याची खोस गोंयांत ओडून व्हरपाची भावना सदांच उरताली. गोंय

स्वतंत्र जालें आनी नवी जीण सुरू जाली. भाशेची जीण सुरू जाली. स्वतंत्र गोंयांत किर्ते तरी वेगळें करतलों ही आशा आसली. तापिल्ल्या तव्या वेल्यान उडी मारली आनी रांदनींत पडलों अशी गत जाली. राखण कुळाचें वेगळेपण सांबाळूंक जय हो संघर्श स वर्सां मेरेन चल्लो. पुरायेन सोंपचे खातीर 1900 वर्सा मेरेन रावचें पडलें. 'राष्ट्रमत' हो ह्या संघर्शाचो भाग. राष्ट्रमत हो एक वेगळो अणभव काळखे राती दिवलेंतली वात पेटोवन वताक सकाळचे, फातोडेचे दिशेन व्हरप हें राष्ट्रमतचें काम आमचे कडेन आशिल्लें. वात हातीचे काम आमी केलें, कांय तेल दिलें. गोंय घटकराज्य जालें. घटनेचे आठवे वळेरेंते पावलें. धनिकांक राष्ट्रमताची गरज उरली ना. पूण सुरू केल्ली प्रवृत्ती कशीच बंद करप शक्य नासलें. पूण तेल सोंपलें म्हूण वात पालवना, उजो तिका सोडिना, तो पुराय जळून वता तेन्ना उजो थांबता, तोवूय अणभव घेतलो. आज हो पुर्तुगेझ म्हाका दिसपाक लागता.

प्रस्न : सुरवेक तुमच्या घरांत साहित्याक फावो तशें वातावरण आसलें?

जाप : ना. सुरवातीक हांव अभ्यासाच्या वेळार बरयतां हे तांकां खटकतालें, हाचो भंय दिसतालो.

प्रस्न : तुमचें भुरगेपण कशें आसलें?

जाप : हांव खूब मस्ती करतालों. उकत्या पांयांनी दोंगरार वतालों. केन्ना कोणें तरी सांगलें की उकत्या पांयांनी भोंवप म्हळ्यार असभ्य मनशाचीं लक्षणां. तेन्ना सावन हांवें पायांक जोतें घातलें. आडसरां चोरप, फुटबोल खेळप. तर केन्ना केन्ना गड्ड्यांनी खेळटालों. तशेंच भोंवपाचो खूब छंद आसलो. घरच्यां कडेन खूब संघर्श जाताले, म्हजे विचार घरच्या हेरां कडेन पटनासले, मार खालो ना. जें घडत रावलें तें पळयलें. ज्या वयार व्यसन लागपाचें त्या वयार जर मनशाक व्हड आदर्श मेळ्ळे जाल्यार व्हड जावंक पावता. नेहरू म्हणटालो, एक ध्येय घेवन समाधान घेवपाचो यत्न करतल्याक मळबाक हात लायिल्लेवरी जाता.

प्रस्न : तुमचे पत्रकारितेची सुरवात कशी जाली?

जाप : आरंभ 16व्या वर्सा जालो. स्कुलांत हस्तलिखितांचें संपादन केलें. हातूंत कथा छापून आयली. मुंबय 'साळीक' कोंकणी मासीक चलोपाक हातभार लायलो. देखीक - लेखन सुधारणा. 1950 'मेवणो' ही पयली कथा प्रकाशीत जाली. हे कथेचें कथानक तशेंच सारकें सादें. नवेंच लग्न जाल्लें एक जोडपें, जें तेरा नंबराच्या घरांत रावपाक वता. तांगेर एक अनवळखी मनीस येता, आपल्या घोवाचो भाव समजून बायल आनी घोव, बायलेचो भाव समजून ताका हुनहुनीत येवकार दितात. पूण तो वचपाक भायर सरता तेन्ना हो सगळो घुस्पागोंदळ स्पश्ट जाता. All Indian Radioचेर बातम्यो अनुवाद करप. दिल्ली गेल्ले कडेन 'मंगल प्रभात' हस्तलिखत कामांत हातभार लागलो. रवीन्द्र केळेकारांचो 'गोमंत भारती' संपादीत करपाक हातभार लागलो. दिल्लीक वर्तमानपत्रां कडेन संबंद आयलो आनी इश्टांच्या उत्तेजनाक लागून हांव त्या वर्तमान पत्रांत बरोवंक लागलों. दिल्लींत आसतना हांवें हिंदी भाशेंतल्यान पत्रकारिता केली. 'हिप्पी चली' ही कथा पयलीं हिंदींत बरयल्ली. गोंय स्वतंत्र जातकीच हिंदी, मराठी, कोंकणी साप्ताहीक 'त्रिवेणी' बरें चलतालें. राष्ट्रमताची गरज निर्माण जाली. 1963-2003 मेरेन संपादक म्हूण काम केलें. व्यवसायीक नदरेन श्रेष्ठ पत्रकाराचो पुरस्कार मेळ्ळो. अखिल भारतीय संपादक म्हूण Goa Editors गिल्ड हाचें संपादन केलें.

प्रस्न : राष्ट्रमतान लेखक घडोवपाचें कार्य केलां?

जाप : राष्ट्रमतान कितलेशेच लेखक घडयले, कितलेशेच पत्रकार प्रशिक्षण घेवंक तयार जाले. आज व्हडल्या वर्तमानपत्रांनी बऱ्या पदाचेर काम करतात. सुरेश वाळवे नवप्रभा, प्रकाश कुलकर्णी, राजू नायक Indian Express हांची देख दिवपाक जाता.

प्रस्न :विलिनीकरण, घटक राज्य ह्या विचारांचेर राष्ट्रमत जल्माक आयिल्लें तरीय त्या वेळार तुमकां कसलें वेगळेपण जाणवलां?

जाप : महाराष्ट्रांत गोंय विलीन जातलें तेन्ना आमी सोंपतले. गोंय वेगळें उरल्यार किरिस्तांवांक वर्चस्व उरतलें आनी पुतुगेज राजवट चालू उरिल्लेवरी जातले अशें हिंदूंचें म्हण्णें आसलें. पयलीं हिंदू किरिस्तांव अशे भेद जाले आनी कांय जाणांनी जातीभेदाचो आदार घेवन घुरी घालपाक लागले. राष्ट्रमतान कितलीय थाम आसली तरी सामाजीक जीण बरी निवळ केली. एकाच घरांत दोन भाव दोन मतांचे आशिल्ले पळोवंक मेळ्ळे. ताका लागून वाद चल्लो. हिंसाचार जालो. पूण कोंकणी भाशेचे कट्टर विरोधक लेगीत कोंकणीवाद्यांचेर मोग करपी आसले. म्हजो एक इश्ट आसलो, जो म्हजे वांगडा सदांच झगडटालो आनी कोंकणी आड वाद घालतालो. ताणें मराठी संमेलनांत अत्रेचें भाशण आयकल्लें, "बोरकरांना गोव्यातून हाकलून द्या. ह्यांना मांडवीत फेकून द्या." हें आयकून त्या म्हज्या इश्टाक भयंकर राग आयलो. सामको थात मारून तो उबो रावलो, पूण तोंडांतल्यान उतरां आयलीं नात. देखून हजार लोकां मदीं बसून रावलो. कितें करूं आनी कितें नाका अशें ताका जालें. जेन्ना तो इश्ट म्हाका मेळ्ळो तेन्ना तो म्हाका सांगपाक लागलो, "कितें आमचे नालायक लोक. कोंकणी मराठी वाद बरो आसा. तातूंत मदीं बोरकार कित्याक? हो बोरकारांक भायर मारात म्हणटा म्हळ्यार कितें?" असो वाद चल्लो. ओपिनियन पोलान 1967 वर्सा दोनूय प्रस्न सोडयले. त्या संघर्शांत राष्ट्रमताची भुमिका निर्णायक आसली. एक व्हड भुकंप येतकच ल्हान ल्हान भुंयकाप येत रावतात तशे ह्या प्रस्नांक महाराष्ट्राच्या पेपरांनी प्रसिद्धी दिवंक लागले. पूण ओपिनियन पोल जिखतकच राजभास कायद्या वांगडा गोंय घटकराज्य जालें आनी आठवे वेळेरेंत कोंकणी भास पावली आनी वाद सोंपलो.

प्रस्न : सुनापरान्तान कोंकणी खातीर केल्ला वावर आपरोसान सांगात?

जाप : 1986 वर्सा मेरेन कोंकणींत खबरांपत्र नासलें. गोंयांत कोंकणी वाचकवर्ग तयार करपाक कोंकणी खबरांपत्राची गरज खूब आसली. कोंकणींतल्यान खबरांपत्र काडटले जाल्यार आर्थीक मदत जाय आसली. देखून चंद्रकांत केणींनी उद्देजकां कडेन संपर्क केलो. जेन्ना उद्देगपती श्री. दत्तराज साळगांवकारां कडेन अर्थीक मदती

विशीं उलयले तेन्ना ते दिवपाक तयार जाले, पूण तांणी जर तुमी ह्या कोंकणी दिसाळ्याचीं सगळीं सुत्रां तुमच्या हातांत घेतात आनी ताचें संपादन फकत तुमीच करतात जाल्यार हांव अर्थीक मदत करपाक तयार आसां, ना जाल्यार हांव अर्थीक मदतीचो प्रस्ताव फाटीं घेतां. तरी आसतना हांव कोंकणी दिसाळें काडपाक फाटीं फुडें जातालों. देखून हे विशीं उलोवपा खातीर 'मांडवी' हॉटेलांत एक बसका घेतली, तातूंतल्या खूब जाणांनी अशें मत दिलें की जर सुनापरान्ताची चावी म्हज्या हातांत आसली जाल्यार तातूंत कांय बादा जावपाक ना. हे बसकेक हाजीर आशिल्ल्या सगळ्या कोंकणी भावांनी सगळे वटेंतल्यान पालव दिवपाचें उतर दिलें. सुनापरान्ताक 'सुनापरान्त' हें नांव एके विचित्र स्थितींत पडलें. आमी कोंकणी दिसाळ्याचें नांव 'अपरान्त' अशें थारायिल्लें. पूण इंडियन रेजिस्टर ऑफ निवजपेपर (Indian Register of Newspapers) ह्या भारत सरकाराच्या खात्यान खंयचेंय खबरांपत्र उजवाडाक हाडचे पयलीं नोंदणी करची पडटा. 'अपरान्त' ह्या नांवाचे नोंदणे खातीर अर्ज केल्लो. मे म्हयन्याच्या दुसऱ्या सप्तकांत म्हळ्यार 13 मे 1987 दिसा कोंकणी दिसाळें भायर काडपाचो बेत थारायलो. इतल्यान दिल्ली सावन चंद्रकांत केणींक इंडियन रेजिस्टर ऑफ निवजपेपर ह्या खात्यांतल्यान फोन आयलो. फोनाचेर कळीत केलें की, 'अपरान्त' ह्या नांवाचो आनीक एक पेपर भारतांत सध्यां चलता. तेन्ना तुमी तुमच्या खबरांपत्राक नवें नांव दियात. फोनाचेरूच 'सुनापरान्त' हें नांव सुचयलें. आनी अशे रितीन कोंकणीच्या पयल्या वयल्या दिसाळ्याक सुनापरान्त हें नांव पडलें. तरी आसतना सुनापरान्त हें नांव सर्वसामान्य लोकांच्या तोंडार सहज घोळटलें काय ना असो दुबाव मनांत पयलीं येवपाक लागलो.

प्रस्न : इंग्लेज पत्रकारीते विशीं सुरवात कशी आनी कित्याक लागून जाली?

जाप : रानांत पडटकूच वाग जावचें पडटा. भायले गोंयकार इंग्लीश वाचनात ही तीस वर्सां फाटीं गजाल जाली तेन्ना The Navhind Times, Herarld हातूंत बरोवपाक सुरवात केली. Goa Today हातूंत बरोवपाक सुरवात केली. आपले खातीर बरय अशें The Navhind Timesत सांगलें तेन्ना हांवें ह्या वर्तमानपत्रांत बरोवपाक

सुरवात केली. म्हाका अभिमान कोंकणीचो पूण ‘Ideas are more powerful than army of word’, आपूण जें मूळ तथ्य इंग्लेज भाशेंतल्यान अभिव्यक्त करतां तें इंग्लेज भाशेंतल्यान लोकां मेरेन अभिव्यक्त जाता, हो इतलो भौमान पुरो. आनी तें वाचले उपरांत रोखडोच फोन आनी पत्रां येतात देखून एक वेगळेंच समाधान मेळटा.

प्रस्न : कथिके कडेन तुमचो संबंद कसो आयलो?

जाप : जेन्ना हांव आचार्य काकासाहेब कालेलकारांच्या सहवासांत दिल्लीक रावतालों तेन्ना वेगळ्या वेगळ्या भासांतलें साहित्य वाचपाची संद म्हाका थंय मेळ्ळी. तशेंच वाचन करता आसतना एक दीस बंगाली साहित्यांतली रचना ‘लिपीका’ म्हणल्यार ‘कथिका’ मेळ्ळी. तेन्ना म्हाका बंगाली भास तितली बरी वाचपाक येनासली. (उलोवपाक येताली आनी उलयिल्ली समजताली, उपरांत ते ती शिकले). देखून थंयच आचार्य काकासाहेबांच्या सहवासांत रावपी एक मनीस आसलो, (त्या मनशाचें नांव म्हाका याद जायना). ताका बंगाली भास वाचपाक, उलोवपाक बरी येताली. तेन्ना हांवें त्यो बंगाली कथिका त्या मनशा कडल्यान वाचून घेतल्यो. तो साहित्य प्रकार म्हाका खूब आवडलो आनी मानवलो. तेन्ना म्हाका दिसलें की, असलो साहित्य प्रकार कोंकणींतल्यानूय येवपाक जाय. टागोराचें लिपिका पुस्तक वाचल्या उपरांत हांव प्रभावीत जालों, कारण हांव जे तरेन बरयतालों ते तरेची कथा आसली. ते कथेंतलें एकूय उतर आपलें दायज घेवन येता आनी वाक्यां कडेन एकरूप जाता. शब्द ब्रह्म म्हणटा ताचो पुराय साक्षात्कार जाता.

***

## 7.2 आदारावळ.

## संदर्भ-साधनां पुस्तकांची वळेरी.


1. केणी, चंद्रकांत.
2. अळमी, सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय ; 1975.
3. धर्तरी अजून जियेताली, गोमंत भारती, प्रियोळ-गोंय ; 1964.
4. व्हंकल पावणी, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय ; 1985.

**कोंकणी.**

5. काणेकार, सदानंद सीताराम, ओपिनीयन पोल, त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2005.
6. डॉ. कानोळकार, बाळकृष्णजी, क्ष : समिक्षेंतलो, त्रिमुर्ती प्रकाशन, साखळी-गोंय; 2008.
7. कुलकर्णी, जयवंत, (संपादक) वोंवळां, सागरदीप प्रकाशन, कारवार; दुसरी खेप 1997.
8. केणी, चंद्रकांत, आशाढ पांवळी, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1973.
9. इंग्लीश-कोंकणी-हिंदी उतरावळ, गोवा कोंकणी अकादेमी, फोंडें-गोंय; दुसरी खेप 2003.
10. ..... (संपादक) कथा भारती, कुळागर प्रकाशन, मडगांव - गोंय; 2006.
11. ..... कथिका, कुळागर प्रकाशन, मडगांव - गोंय; 1993.
12. ..... कांसावलेचें रायां - फेस्त, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1996.
13. ..... (संपादक) कोंकणी कथासंग्रह, साहित्य अकादेमी, नवी-दिल्ली; 1989.
14. ..... गोंय आनी गोंयकार, साहील प्रकाशन, मिरामार, पणजी-गोंय; 2002.
15. ..... तरेतरेचीं सवंगां, सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1973.
16. ..... (संपादक) दवा थेंब, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2007.

17. ..... फुलांचो हात, सोबीत साहित्य, पणजी-गोंय; 1972.

18. ..... बहुरत्ना वसुंधरा, चंद्रकांत केणी सत्कार समिती, मडगांव-गोंय; 2004.

19. ..... (संपादक) भूंय चाफीं, चंद्रकांत केणी, 1956.

20. ..... मेघ मल्हार, चंद्रकांत केणी सत्कार समिती, मडगांव-गोंय; 1994.

21. ..... रातभर पावस, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1991.

22. ..... सरभर, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 2008.

23. ..... साहित्य स्वाध्याय, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1996.

24. केळेकार, रवीन्द्र, आशिकुशीक, जाग प्रकाशन, पाजीफोंड, मडगांव-गोंय; 2007.

25. ..... सर्जकाची आंतरकथा, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 2000.

26. कोळबंकार, शीला, कथाशील्प, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 2007.

27. ..... भूंय चाफीं, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1994.

28. गोमिश, ओलिवीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय; दुसरी खेप 1996.

29. जोग, गजानन रघुनाथ, रूद्र, अपुरबाय प्रकाशन, फोंडें-गोंय; 1986.

30. रवीन्द्रनाथ, टागोर, कण्ठमणी, अणकार : बोरकार, बाळकृष्ण भ., जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1996.

31. डिसौझा, चंद्रलेखा, कोंकणी काव्याची पृष्ठभूमि, चितंन प्रकाशन, वास्को-गोंय; 1994.

32. तडकोड, सु. म., कोंकणी समिक्षण तत्व आनी प्रयोग, केदार प्रकाशन गृह, पणजी-गोंय; 1989.

33. द सौझ, झोतिक, नेहरू आनी गोंय, राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 1996.

34. देशपांडे, कमलादेवी राव, म्हणी फाटली काणी - खंड दुसरो, अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव-गोंय; 1998.

35. नागवेंकार, हरिश्चंद्र, आस्वादन, गोंयकार प्रकाशन, मडगांव-गोंय, 1987.

36. ..... (संपादक) पुरूषोत्तम काकोडकार, गौरव ग्रंथ, अपुर्बाय प्रकाशन, फोंडें-गोंय; 1988.

37. नायक, जयंती, लोकबिंब, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1998.

38. नायक, पुंडलीक ना., गा आमी राखणे, अपुर्बाय प्रकाशन, वळवय, फोंडें-गोंय; 1990.

39. ..... (संपादक), समकालीन कोंकणी लुघकथा, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया; 1998.

40. बुडकुले, किरण, साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी काया रूपां, ॐ श्री. दत्त पद्‌मजा प्रकाशन, काणकोण-गोंय; 1988.

41. मावजो, दामोदर, भुरगीं म्हगेलीं तीं, अस्मिताय प्रतिष्ठान, मडगांव-गोंय; 2001.

42. म्हांबरो, अ. ना., पणजी आतां म्हातरी जाल्या, कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय; 1985.

43. ..... (संपादक), प्रसादाफूल, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1971.

44. लंवदे, वसंत गोविंद, कोंकणी भाशेचें अध्यापन, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1995.

45. वालावलीकार, शांताराम वर्दे, (संपादक) समग्र शणै गोंयबाब - खंड तीसरो, गोवा कोंकणी अकादेमी आनी इन्स्टिटयूट मिनोझिस ब्रागांझा, पणजी-गोंय; 2006.

46. वेरेंकार, श्याम, सरदेसाय, माधवी, म्हाळशी, कमलाकार, (संपादक) कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव-गोंय; 2003.

47. शणै, गोंयबाब, गोमन्तोपनिषत खंड पयलो, गोमन्तक छापखानो, गिरगांव-मुंबय; (तिसरी उजवाडावणी) 1989.

48. ..... झिलबा राणो, गोमन्तक छापखानो, गिरगांव-मुंबय; दुसरी खेप 1950.

49. सरदेसाय, लक्ष्मणराव, कथा शिल्प, जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय; 1977.

50. गोवा कोंकणी अकादेम, (संपादक) साहित्य शिल्प, गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय; 1995

**हिंदी.**

51. इष्टवाल, नरेन्द्र, कथाकार निर्मल वर्मा, श्याम प्रकाशन, जयपूर; 2001.

52. कुचेकर, भारत, भीष्म साहनी व्यक्तित्व एवं कृतित्व, विनय प्रकाशन, कानपूर; 2004.

53. केळेकार, रवीन्द्र, आधुनिक भारत के निर्माता : काकासाहब कालेलकार, प्रकाशन विभाग सुचना और प्रसारण मंत्रालय, भारत-सरकार; 1990.

54. चौधरी,वेदवती, नवम् दशक की कहानियों में कामकाजी नारी की भुमिका, अन्नपुर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2003.

55. त्रिपाठी, धर्मध्वज, प्रेमचन्द : कथा साहित्य समीक्षा और मुल्यांकन, प्रेम प्रकाशन मंदिर, दिल्ली; 1993.

56. Tandan, Neerja A., stylistic. Easter Book Linkers, Delhi; 1996.

57. मौर्य, देवकृष्णा, उपन्यास शिल्पी अज्ञेय, शैलजा प्रकाशन, कानपूर; 2006.

58. देसाई, मंजुला, कमलेश्वर की कहानिंयो का अनुशीलन, क्वालिटी बुक्स पब्लीशर्स एण्ड डिस्ट्रीब्युटर्स; 2002.

59. बुडकूले, किरण, आनी सुर्लकर, मोहनदास. कथा-दर्पण. इंस्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा, पणजी-गोवा. 2009.

60. शर्मा, जानकी प्रसाद, कहानी का वर्तमान, राजसुत्र प्रकाशन, दिल्ली; 2000.

61. शरण, डी. के., भारतीय इतिहास में नारी,. क्लासिकल पब्लिशिंग कम्पनी, नई-दिल्ली; 2007.

62. साळुंके, सुरेश चांगदेव, गिरिराज किशोरी का उपन्यास साहित्य : एक अनुशीलन, अन्नपुर्णा प्रकाशन, कानपूर; 2004.

63. हरि, मोहन. साहित्यक विद्याएँ : पुनर्विचार. वाणी प्रकाशन, नई-दिल्ली; दुसरी खेप 2005.

64. हिरे, एस. बी., कथाकार से. रा. यात्री : व्यक्तित्व एवं कृतित्व. अन्नपुर्णा प्रकाशन, कानपूर; 1993.

65. हेस, कृष्णलाल. समीक्ष-शास्त्र. ग्रंथ मरामबण प्रकाशन, कानपूर; 1975.

**इंग्रजी.**

66. Altern, Lyn N. and Bernd, Altern, (संपादक) introduction to literature : stories, poem, play, The MacMillan Company, Second Edition; 1963.

67. Baily, Tom (संपादक) on writing short stories, New York University Press; 2000.

68. Bhat, Yashoda, and Rao, Yamuna Raja. (Associated edit). (संपादक) The Image of Woman in Indian Literature, B. R. Publishing corporation, Delhi; 1993.

69. Bhattacharya, Arunodoy, Studies in selected short stories, Bookway, Kolkata, Second Edition; 2006.

70. Borges, J. Charies., Perira, Oscar. G. Stabbes, (संपादक) Goa and Portugual: History and Development, Concept Publishing Company, New-Delhi; 2002.

71. Das, SisirKumar, A History of Indian Literature, (1911- 956), Sahitya Akademi; 1995.

72. Deora, M. S., (संपादक) Liberation of Goa, Daman and Diu from Portuguese Rule, Discovery Publishing House, New Delhi; 1995.

73. Dutta, Kalyannath, A Constellation of Literary & Critical Terms, Bookway, Kokata; 2005.

74. Gomes, Olivinho J. F., Goa, National Book Trust of India, New- Delhi; 2004.

75. Hudson, William Henry, An Introduction to Study of Literature, Kakyan Pusbliser, New-Delhi; Reprited, 1995.

76. Kathlen, Heasman, The Study of Society, London Gerorge Allen & Unwin Ltd. 1973.
77. Kelekar, Ravindra. Bibliography of Konkani Literature. Gomat Bharati, Priol - Goa. 1963.
78. Klarrer, Mario. An Introduction to Literary Studies. Routledge Fetter, London. 2000.
79. Lodge, David (संपादक). 20th Century Literary Criticism. Lonman Group Lts, London. 1972.
80. Millan, LAN. The Novel in English an Introduction. Mac Millan, International Collage Publication; 1983.
81. Prasad, Amarnath. (संपादक) Indian Women Novelists In English. Atlantic Publisher And Distributors, New Delhi; 2001..
82. Raghava, Sulochana Rangeya. Sociology of Indian Literature: A Sociological Study of Hindi Novel. Rawat Publication, Jaipur; 1987.
83. Ribero, VictorRanGel. (संपादक) Goa - Aparanta - *Land Beyond the End.*
a. Vasco-da-Gama, Publication Private Limited; 2008.
84. Sardesai, Manohar. A History of Konkani Literature. Sahitya Akademi, Delhi 2000.
85. Sarkar Subhas. Literary Essays. The World Press Privated Limited, Calcutta; 1977.
86. Sen Sukumar A History of Bengali Literature. Sahitya Akademic, Delhi. 1960.
87. Shety, Manohar. Ferry Crossing. Penguim Book, 1998.
88. Skeik, Ali B. (संपादक) Goa wins Freedom: Reflecation and Reminisicences. Goa University, Goa; 1986.
89. Steward, Joyce S. and Burkett, Eva M. (संपादक). Introduction Reading in Literary Criticism. Addison Publishing Company, Philippnes. 1968.
90. Wren. P. C. And Martin, H. (संपादक) English Grammer and Composition. S. Chand & Company Ltd., New Delhi; 1990.

## **मराठी.**


91. कानोळकर, बाळकृष्णजी. प्रा. लक्ष्मणराव सरदेसाई यांची कथा : एक शोध, गोमंतक मराठी अकादेमी, पणजी-गोंय; 2005.

92. कुलकर्णी, अनिरूध्द. (संपादक). प्रदक्षिण भाग पहिला. कॉन्टीनेल प्रकाशन; 7 खेप. 1980.

93. केणी, चंद्रकांत. (संपादक), गोवा कोंकणी आणि महाराष्ट्र, नव गोमन्त प्रकाशन; 1964.

94. ..... प्रतिंबिंब. Majestic Prakaahan, Mumbai; 1994.

95. केळेकार, रवीन्द्र. भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र, अणकार आनी संपादन : डॉ. दुभाषी, अरूणा. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2008.

96. जोशी, वसंत स. भाषा व साहित्य : संशोधन, मराठी साहित्य परिषद, पुणे; 1981.

97. बुडकुले, किरण, (संपादक), कोंकणी कथा मराठींत, साहित्य अकदेमी; दुसरी खेप, 2008.

98. देव, सदाशिव, कोशवाङ्मय विचार आणि व्यवहार, सुपर्ण प्रकाशन, पुणे; 2002.

99. नाडकर्णी, एस. आनी कोमरंपत, सोमनाथ, (संपादक), गोमंतकीय मराठी वाङ्मयाचा इतिहास, खंड दुसरा, गोमंतक मराठी अकादेमी; 2003.

100. पाटील, मृणालिनी, लांजेवार, ज्योती, धनकर, मंदन, (संपादक), समकालीन साहित्य - प्रवृती आणि प्रवाह, विजय प्रकाशन, नागपूर; 1985.

101. पुंडे, दत्तात्रय, आनी तावरे, स्नेहल, (संपादक), साहित्य विचार, स्नेहवर्धन पब्लिशिंग हावस, पुणे; 1996.

102. पोतदार, के. ए., संपादक आणि संपादकीय, कौस्तुभ प्रकाशन; 1991.

103. कोशवाङ्मय.

**कोंकणी.**

1. डॉ. सरदेसाय, मनोहरराय, (संपादक), कोंकणी विश्वकोश, खंड पयलो, गोवा विश्वविद्यालय, गोंय; 1991.
2. डॉ. हळर्णकार, तानाजी, (संपादक), कोंकणी विश्वकोश, खंड तिसरो, गोवा विश्वविद्यालय, गोंय; 1999.
3. घाणेकार, दामोदर. (संपादक), कोंकणी इंग्लींश डिक्शनरी, राजपहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2007.
4. घाणेकार, दामोदर कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश, राजहंस वितरण, पणजी-गोंय; 2009.

**हिंदी.**

104. डॉ. गौतम, सुरेश, आनी गौतम, विणा, (मीमांसाक एवं संपादक), भारतीय साहित्य कोश, संजय प्रकाशन, दिल्ली; 2008.
105. प्रा. चतुर्वेदी, महेन्द्र, आनी प्रा. बाली, तारकनाथ, (संपादक), साहित्य परिभाषिक शब्दकोश, बुक्स एण्ड बुक्स काशन, दिल्ली; 1992.
106. आचार्य वर्मा, रामचंद्र, (संपादक). डॉ. कपूर, बदरीनाथ. (संशोधन संपादक). लोकभारती प्रमाणिक हिन्दी कोश, लोकभारती प्रकाशन, इलाबाद; तिसरी खेप 1997.

**इंग्लीश.**

107. केळकार, गुरूनाथ, इंग्लीश कोंकणी शब्दकोश, Focus Press Private Limited, Goa; 1997
108. Gregar, R .S. Mc. The Oxford Hindi-English Dictionary, The Oxford Publication, New-York;.1997.
109. Parthak, N. P. Dictionary of Literary Term, Marani Lal and Sons, New-Delhi; 2004.

110. Thali, Prakash. and Ghanekar, Damodar. (संपादक). Rajhauns, New Generation, English Konkani Dictionary. Rajhauns Vitaran, Panjim - Goa; 2007.

111. Ganekar, Damodar. (संपादक). Rajhauns New Generation Konkani English Dictionary. Rajhauns Vitaran, Panjim - Goa; 2003.

112. Sharws, Harry. Dictionary Of Literery Term. Mac Raw Hill Books Company; 1905.

**प्रबंध.**

113. डॉ. देसाय, गुणजी सदानंद, शणै गोंयबाबालें कोंकणी साहित्य आनी सामाजीक चेतना, गोंय विद्यापिठांत सादर केल्लो प्रबंध, 2008.

114. डॉ. नायक, जंयती, कोंकणी लोकवेदांतली बायलेची प्रतिमा - एक सामाजीक संस्कृतीक अभ्यास, गोंय विद्यापिठांत सादर केल्लो प्रबंध, 2004.

115. Rodriguese, Maria Do ceu. Opinion Poll: an Evaluation. A Thesis Submitted to Goa University in Political-Science,1996.

116. यादस्तीक कोंकणी.

117. उदय भेंब्रेंचो शष्टिपुर्ती भौमान : वाढदिसा निमतान काडिल्लें यादेस्तीक, संपादक प्रा. नागवेंकार, हरिश्चंद्र., आनी मावजो, दामोदर, फेब्रुवारी 13, 2009.

118. कौल, ओपिनियन पोल दशकपूर्ती विशेश अंक, 1977, संपादक आनी उजवाडावपी डॉ. नागवेंकार, हरिश्चंद्र.

119. स्मरणिका, चवथें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन, 2001.

**नेमाळीं.**

**कोंकणी.**

120. कुळागर, पयलो अंक 1979, जून 1980, जानेवारी 1984, दिवाळी अंक 1985, डिसेंबर 1985, मार्च 1986, दिवाळी अंक 1986, ऑगस्ट 1988, डिसेंबर 1989, डिसेंबर 1993, मे 1995.

121. कोंकणी, दिवाळी अंक 1996, चवथ अंक 2000, चवथ अंक 2001, वर्सुकी 2005, चवथ अंक 2007, चवथ अंक 2009.

122. कोंकण टायम्स, दिवाळी अंक 1987, दिवाळी अंक 1988, दिवाळी अंक 1999, दिवाळी अंक 2001, एप्रिल-जून 2003, दिवाळी अंक 2009.

123. जन मन, चवथ अंक, 31, ऑगस्ट 2003.

124. जाग. दिवाळी अंक 1985, ऑगस्ट 1990, दिवाळी अंक 1995, जानेवारी 1997, डिसेंबर 1997, जानेवारी 1998, जानेवारी 1999, फेब्रुवारी 1999, मार्च 1999, फेब्रुवारी 2000, सप्टेंबर 2000, दिवाळी अंक 2001, सप्टेंबर-ऑक्टोबर 2002, दिवाळी अंक 2004, जून 2005, ऑगास्ट 2007, फेब्रुवारी 2007, दिवाळी अंक 2007, जानेवारी-फेब्रुवारी 2008, फेब्रुवारी 2009, मार्च 2009, ऑगस्ट 2009, दिवाळी-नातलां अंक, 2009, जानेवारी-एप्रील 2010.

125. जैत, दिवाळी अंक, 2007, दिवाळी अंक, 2009.

126. बिम्ब, दिवाळी अंक, 1999, दिवाळी अंक, 2006, मार्च 2008.

127. मीर्ग, (15 ऑगस्ट 1953 - 1 जानेवारी 1956).

128. सुनापरान्त, 4 फेब्रुवारी 2009, डिसेंबर 2003 (विशेंश गोंय मुक्तीदीस पुरोवणी).

**इंग्रजी.**

129. Goa Today, January 1989, November 2007, March 2009.

130. The Navhind Times, February 4, 2009, May 25, 2008, Sunday Panorama, December 21, 2008, Sunday Panorama, August 10, 2008. Sunday Panorama, January 20, 2008.

**मराठी.**

131. गोमन्तक, फेब्रुवारी 4, 2009, फेब्रुवारी 8, 2009.

132. नवप्रभा, फेब्रुवारी 4, 2009,

133. राष्ट्रमत, सप्टेंबर 1, 1988.

***